m.	He states that as per the letter the Board is required to receive a weekly report but the same is not done. He wanted to know that till date how many complaints have been received by the GSPCB from the people of Vasco against Coal Pollution.	Weekly if desired could be submitted. Not relevant to the project.
	GSPCB representative's intervening comment: The GSPCB official states that the record will be checked and the compliance will be informed accordingly.	-
n.	He states that he has also written to the PMO office regarding this issue. The PMO has directed the office of the Chief Secretary to act. He states that if PMO office has replied to this letter, than why State Government Authorities are not replying to him.	Comments not directed to the project proponent.
o.	He seeks action on the MPT / JSW officials who have failed to come prepared for today's public hearing.	No comments are offered.
p.	He objects to grant of approval to the Project of JSW.	No comments are offered.
q.	He states local MLA is not opposing the Project as he has received benefits from the unit.	No comments are offered.
90. Vasant Naik		
	Chairman called out Vasant Naik to speak	He was not present.
91. Mohamad Yusuf Khan		
	Chairman called out Mohamad Yusuf Khan to speak	He was not present.
92. Parshuram Shetye		
a.	He raises a point of order and requests the Collector to print the public register, to speak at the Public Hearing.	Comments not directed to the project proponent.
		Collector declares lunch break to reassemble at 2:45p.m.
93. Vasant Naik		
	Chairman called out Vasant Naik to speak	He was not present.
94. Abdul Rehman Sheikh		
	Chairman called out Vasant Naik to speak	He was not present.

95. Mohamed Yusuf Khan		
	Chairman called out Mohamed Yusuf Khan to speak	He was not present.
96. Henry D'Mello		
	Chairman called out Henry D'Mello to speak	He was not present.
97. Nicholau Satibero		
	Chairman called out Nicholau Satibero to speak	He was not present.
98. Mr Araujo spoke in place of Nicholau Estibeiro		
a.	He stated that he has been here for the last three days. Today is the adjournment hearing. He stated that his submissions towards enhancement of coal handling is as under;	
	• He stated that the condition at the Berths is pathetic and its own employees are not provided with protective wear. The Project proponent should provide the employees with personal protection.	SWPL provides safety helmets, face mask and other safety measures to the employees. The coal stacks are always covered with tarpaulin and also water sprinkling is carried out from time to time to minimise fugitive and dust emission. SWPL has erected a wind shield to obstruct and contain the dispersion of dust. Also mechanised broom vehicles are deployed on the berths for berth cleaning.
	• He further stated that the Project proponent is stacking coal beyond recommended stack height totally exposed without covering.	The observation is not correct. The coal is stacked upto permissible height. Also a wind breaking wall of 12m is constructed to avoid emission. We always keep the stacks covered except at the time of stacking and reclaiming which is carried out under water sprinkling.
	• He stated that the water used for sprinkling flows into the river thereby polluting the sea water and the fish.	The Coal stacks are covered with water proof sheets and protected at the sides from collapse by crash barriers. Hence, no flow is envisaged from the coal dump. In case of any flow, they collected in the dump pond/settling tank, so question of direct discharge in to the sea is not possible. There is no link between fish catch with on ground handling of material.
	• He stated that the sprinkling water is raw sewage totally smelling and the residents residing nearby have to bear this.	The Port Terminal presently uses 200-250 kld treated sewage from the STP of MPT for sprinkling.
	• He submitted that the presentation of EIA is totally fraud.	Please refer our response to 36.a and various other points above.
	• He also stated that during wood chip handling there is spillage and these are washed into the sea.	The terminals 5A & Â do not handle any wood chips

	• He stated that the Project proponent operates in violation of Human Rights	No response is offered.
	• He questioned as to whether the air flows within the radius of 10 Kms or whether fresh air is generated after 10 Kms radius of the site.	Comment is not specific.
	• He questioned whether the trucks and trains moving through other cities are not contributing to pollution.	There is no road transportation of cargo in the Project at present and the same is not proposed in the proposed modernization phase as well. Railway transport of cargo is an ongoing operation since start of the terminal. All the rakes are covered during movement.
	• He stated that a case should be filed against the JSW, MPT, Adani and GSPCB.	No response is offered.
	• He stated that when he approached three times to the GSPCB for the reports of inspection of coal handling, he was told to approach the Member Secretary of the Board for the same. He further stated that some of the officials informed him that the levels were high. He questioned the representative of the GSPCB as to what is the percentage of pollution.	Comments not directed to the project proponent.
	GSPCB representative's intervening comment: The GSPCB Official informed Mr. Araujo that the data is available on the website of the Board.	-
	• He stated that the project proponent has not mentioned the benefits that the company will gain from this proposed project in the EIA report.	The observation is not correct. Please refer Chapter 1 Introduction, Section 1.3 Project Profile, page no. 1-5 which deals with the matter of benefits of the project to the project proponent.
	• He stated that the site is a reclaimed land and it takes a month to fill it up.	The statement is not correct. The proposed project is to be carried out in the existing operations only. No additional waterfront or land is to be acquired. The project does not involve any reclamation.
	• He questioned as to who is responsible for the health of the people; i.e Whether GSPCB, Adani, JSW or MPT. He further questioned as to who is responsible for the medical bills of the people who are affected due to coal handling activity	Please refer our response to 1.a & 4.c No response is offered.
	• He stated that he strongly condemns the act of the elected members as they did not attend the public hearing. He questioned as to whom they represent? Whether JSW, Adani or MPT. He stated that it is a shame for them for protecting such devils.	No response is offered.
	• He strongly objected to grant of approval for the proposal of the Project proponent.	No response is offered.
99. Abhijit Prabhudesai, Vasco		

a.	He stated that at the first day of the hearing 26/04/2017, the project proponent refused to answer any question posed to them by the public and stated that they will be answering the questions later in the day. However, he stated that these questions were not answered till today by the Project Proponent.	The PP is required to submit written submissions of the answer to the queries. This is being done.
b.	Further he stated that he wanted to know all the questions that were raised by the public on the first day.	The recorded minutes were read out to the public in Konkani and English, thus all the questions/ queries and suggestions made during the proceedings of the public hearing over the three days were informed to all present at the venue.
c.	He further sought for time from the Collector for the public to make corrections in the minutes.	No comments
d.	Chairman, Public Hearing Panel's intervening Comment: The Chairman informed that they would be given time upto 06/05/2017 to carryout necessary amends.	

The Project Proponent was directed by the Chairman to submit a clarification to the Public on their grievances.

Authorised Representative of the Project Proponent submitted as follows:

1) The minutes have been duly recorded.
2) SWPL is duty bound by procedure given in the EIA Notification to provide information or clarification sought during the public hearing and will do so in writing.
3) The following 5 major clarifications are placed before the Public.

- SWPL does not undertaken any coal transportation by public road and they will not be doing it in the proposed capacity enhancement.
- The present rail infrastructure is sufficient to take the consequential additional cargo. No rail doubling has been proposed by us as part of the project.
- Presently, SWPL are using MPT treated sewage water for the current operations of dust suppression. For the proposed enhancement, they will utilize the 2300 KLD CETP water at Baina operated by the PWD.
- Presently, SWPL are covering their Cargo with tarpaulin all year round. Being a Brownfield Project there are engineers challenge to put a hard longitudinal cover, Engineering feasibility for the same is underway.
- SWPL has not proposed any dredging as part of our Project. The proposed project is independent of the capital dredging project of MPT, and will be implemented with or without dredging.

मे. सावथ वॅस्ट पोर्ट लिमिटेड, मुरगांव बंदर, गोंय

हांणी करपाच्या

मुरगांव पोर्ट ट्रस्टाच्या

बर्थ 5 (ए) आनी 6 (ए) च्या प्रस्तावीत टर्मिनल क्षमताय वृद्धी खातीरचे

पर्यावरणीय भौशीक सुनावणेंतल्या

प्रस्नाक दिल्ल्यो जापो

सल्लागार:

वॅपकोस इंडिया लिमिटेड, नवी दिल्ली

(भारत सरकाराचो उपक्रम)

मे. सावथ वॅस्ट पोर्ट लिमिटेड, मुरगांव बंदर, गोंय
हांणी करपाचीं

मुरगांव पोर्ट ट्रस्टाच्या बर्थ 5 (ए) आनी 6 (ए) ची प्रस्तावीत टर्मिनल क्षमताय वृद्धी

1.	अविनाश तावारीश, फातोड्डें :	
a.	प.प्र.त. अहवालांत व्हडा प्रमाणाचेर चुको आसात.	
	अहवालांत 10 कि.मी. अंतराचो अभ्यास म्हणला, पूण प्रत्यक्षांत फकत 5 कि.मी.चेरच सेन्सर बसयल्यात. देखून 4 कि.मी. परस उण्या अंतरा खातीरचीच माहिती एकठां यल्ल्यान हो प.प्र.त. पुराय रितीन दोशपूर्ण आसा.	सडा हेडलँडाचे उत्तरेकडेन प्रस्तावीत प्रकल्पाचें थळ आसा आनी (उत्तर आनी दक्षिणे वटेन लागींच) ताचे भोंवतणी दर्या आसा. बंदर टर्मीनल कार्यान्वयनांतलें संभाव्या हवा प्रदुशण हवेंत हुबपी घणकणांच्या स्वरुपांत आसतलें, जें चड करून थळाचेर राबयल्ल्या प्रदुशण नियंत्रण उपाय-येवजण्यांक लागून नियत्रणांत उरतले. त्याभायर हें साप्प उण्या प्रमाणांतले संभाव्य संहत स्तर सामान्य हवामान स्थितींत चड पयस पातळपाची शक्यताय ना. देखून, उणी खरसाण आशिल्ले प्रदुशक घटक पातळचे पयलींच आडावपाचे नदरेन ह.भो.गु. मुळाधार कें.द्रां.5 कि.मी. त्रिज्या भितर वा आशीकुशीक स्थापन केल्या.
	• पर्यावरणी तपासण्यो मार्च-मे 2016 मजगती गिमाच्या काळांत केल्यात. प्रदुशणाचे स्तर ज्या वेळार चड आसतात त्या शिंयाळ्याच्या काळांत त्यो करूंक जाय आशिल्ल्यो. शिंयाळ्यांत वास्को शारांत चडांत चड प्रदुशण आसता जाका लागून लोक दुर्येत पडटात. वाऱ्याचे दिखेचो अभ्यास जाणून बुजून करूंक ना आनी अहवालांत तो दिश्टी पडना. उण्यांत उण्यो नोंदी मेळच्यो म्हूण वॅप्कोसान मुद्दाम जावन हें अशें केलां.	पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास केला.
	• दिशाभूल करपी भोंवतण मार्गदर्शक सुचोवण्यो वापरल्यात (प.प्र.त.चो तकटो 3.1). सरासरी नोंदींची भारतीय मानकस्तरांचे दीसपट्टे मर्यादे कडेन तुळा केल्या. भारतीय मानकस्तरांचे भोंवतणेच्या हवेचे वर्सुकी सरासरी कडेन न्हय. ताका लागून वॅप्कोसान 24 ताशी मान्यताय मर्यादे कडेन तुळा करून चुकीचें विश्लेशण केलां, हें सिद्ध जाता. हें विश्लेशण जाणीवपूर्वक आसा.	हो अभ्यास तीन म्हयन्यांच्या काळांत केला, देखून रा.ह.भो.गु.स्थि.चे वर्सुकी सरासरी कडेन तुळा करूंक ना, जी मानक/प्रमाण पद्दत आसा.
	• भारतीय मानक स्तर अपर्याप्त आसात, ते सारके नात. देखीक घनकण 10 खातीर जागतीक मानकस्तर 50 जाल्यार भारतांत ते 100 आसात. हीच गजाल हेर प्रदुशक घटकांचे बाबतींत लेगीत खरी आसा. सद्याचे भारतीय स्तर गृहीत धरल्यार लेगीत भारतीयांक धोको आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

	• घनकण 2 आनी 10 चे स्तर जा.भ.सं. न निर्धारीत केल्ल्या स्तरां परस अनुक्रमान 4 आनी 3 पटीन चड आसात. जंयच्यान कोळसो आयात करतात त्या ऑस्ट्रेलियांत लेगीत हाचे परस खर नियम आसात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	• आयात केल्ल्या कोळश्याची ओलसाण चड आशिल्ल्यान हवेंत धुल्ल हुबपाचें प्रमाण उणावता, हो वॅप्कोसाचो दावो चुकीचो आसा. हाचें कारण चड ऍश आनी उणी ओलसाण आशिल्लो कोळसो कच्चो माल म्हूण वापरतात अशें प.प्र.त. च्या पान 4.16 आनी 5.6 भितर म्हणलां.	हे विधान चुकीचें आसा. प.प्र.त. अहवालांतल्या विधाना कडेन आमी बांधील आसात.
b.	प्रस्तावीत प्रकल्पाचो जल-पर्यावरणाचेर जावपी परिणामाचो अभ्यास हया अहवालांत करूंक ना. तशेंच पोर्टांतले लॅडाचे (भिडाचे) स्तर दर्या-उदकांतल्या लॅडा परस 250 पटीन चड आसा, अशें अहवालांत म्हणलां. जड धातुच्या उदकांतल्या संदुशणाचे सुरक्षीत मापदंड अहवालांत दिवंक नात.	अहवालांत जल पर्यावरणाचो विचार केला आनी प.प्र.त. अहवालांत प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं प्रमाण मापदंड नमूद केल्यात. उदकांतल्या उपक्रमांची जापसालकी एस.डब्लू.पी.एल.ची नाशिल्ल्यान तशएंच उदकांतल्या जड धातुंचें संभाव्य प्रमाण बंदर चालू जाल्ल्या पसूनच्या सामुग्री हाताळपी सगळ्या उपक्रमांचो एकवटीत परिणामांक लागून जाल्लें आशिल्ल्यान, एस.डब्लू.पी.एल. हया प्रस्नाची जाप दिवपाक शकना.
c.	मातयेचे स्तर फकत बंदर वाठारांत तपासल्यात, पुराय बाधीत वाठारांनी न्हय. आर्सेनीक मर्क्युरी सारक्या जड धातुं खातीर मातयेची तपासणी कंपनीन करूंक ना.	प्रस्तावीत प्रकल्पांतल्या उपक्रमांचें स्वरूप ही सद्याक चालू आशिल्लीच प्रक्रिया आसा आनी हाताळणेची कुशळटाय वापरून वर्सुकी उलाढालींत निर्णायक/अंतीम वाड करपा बगर हया उपक्रमांत कसलोच बदल अपेक्षीत ना.देखून प्रक्रियेंत कसलोच बदल घडपाचो नाशिल्ल्यान प्रभावीत वाठाराचे मातयेचेर ताचो कसलोच प्रभाव पडपाची शक्यताय ना. माती विश्लेशण माती गुणवत्ता मुळाधार माहिती स्थापीत करपा खातीर केलां.
d.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून हुबपी धुल्लाचें प्रमाण थरोवंक ना.	प.प्र.त.चो एक वांटो म्हूण केल्लें भोंवतणेची हवा विश्वेशम तशेंच प्रकल्प प्रस्तावक आनी गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ हांणी केल्ल्यो हेर दीसपट्टयो तपासण्यो, हांचे वेल्यान टर्मिनलांत आनी ताचे भौवतणेच्या वाठारांत हवा भोंवतणेचे स्तर निर्धारीत मर्यादे परस जायते उणे आशिल्ल्याचें दिश्टी पडलां. सगळे तरेचे स्राव नियंत्रक उपाय करपाचे आशिल्ल्यान तशेंच ह.भो.गु. पांवड्यार दखलपात्र प्रभाव घडचे नात. स्राव नियंत्रक उपाय पाठ चार भितर सांगल्यांत; प्रभाव मोलावणी आनी उणावणेचे उपाय अनुभाग 4.3.4 पान 4.14 चेर सांगल्यात.
e.	उदक फवारणी फावो तितली ना.	हवेंत हुबपी धुल्ल आडावपा खातीर आर्विल्ली उपकरणां वापरून उदक फवारणी करतले.

f.	उदका थेंब्यांचो आकार घनकणा परस व्हड वा ताचे येदो जाय.पूण कंपनी सामान्य आकाराचे स्प्रिंकलर वापरता देखून प्रदुशण आडावंक ते अपुरे पडटात. कोळसो जायत्या प्रमाणांत जलरोधी आसता देखून ओलसाण वाडोवपी घटक वापरपाची गरज आसता. पूण कंपनी ते वापरी ना. ल्हान घनकण जायते दीस हवेंत तशेच हुबत रावतात आनी मुळावे सुवाते पसून पयस हुबत वचपाची शक्यताय आसता. देखून बंदरा वयले कोळश्याचे हाताळणेक लागून गोंय धोक्यांत आयलां. प्रस्तावीत वाडीक लागुनचे अतिरिक्त रेल्वे येरादारीक लागून 20-40 टक्क्यांनी हवेंतले घनकण संहत वाडटले (लिखीत निवेदन पळोवचें). अभ्यास वाठारांत रावपी लोकांचे मुळाधार स्थितीचो आनी 10 वर्सांच्या बंदराच्या काळांतल्या फुफ्फुसाच्या दुर्येसांनी पिडीत लोकांचो अभ्यास केल्लो ना.	जहाजांतल्यान ओतिल्ली सामुग्री एकठांवपी हॉपर, जंक्शन-टॉवर आनी संवाहक वेवस्थांनी 'अक्वा डायन' उजक फवारणी यंत्रणा टर्मिनलाचेर बसयतले. फॉगिंग तंत्रज्ञानाचेर ही यंत्रणा चलत आशिल्ल्यान, सामको बारीक हवेंतलो धुल्ल लेगीत परिणामकारकतायेन आडावप ह्या पूर्वनियोजीत आकार आनी स्वरुपाच्या उदका थेंब्यांक लागून शक्य जातलें. ढिगाऱ्यांच्या यार्डांनी माल धांपिल्लो आसतलो आनी फकत राशी दाळपा वेळार आनी पुनर्वसना वेळारच तो उक्तो करतले, त्या वेळार ताचेर उदक फवारणी करतले आनी हे ओलसाणेक लागून स्राव पुराय रितीन मर्यादीत उरतले.
g.	सांठवण टांकयांतल्यान निर्माण जाल्ल्या धातूमळाक (स्लज) इंधन-मूल्य आसा आनी तो गांवांतल्या लोकांक वितरीत करतले, अशें अहवालांत म्हणलां. पूण हो स्लज आम्ल आशिल्ल्यान आनी तांतूत विखारी घटक आनी जड धातू आशिल्ल्यान तो भोवच घातक आसता. असो स्लज इंधन म्हूण लासलो जाल्यार तें लोकांच्या आनी खासा करून भुरग्यांच्या जिविताक भोवच मारक थारूं येता. हाचे वेल्यान कोळसो कोयर हाताळणेंतलें कंपनीचें हलगर्जीपण दिश्टी पडटा.	कोळश्याचेर मारिल्ले उदक चड करून कोळसो ओडून/शोशून घेता. देखून थंयच्यान तें व्हावूंक पावनां. कोळश्यांच्यो राशी सेगीत धांपून दवरिल्ल्यो आसतात, पावसाच्या उदकाचो तांचे कजेन संबंद येना. देखून 'लिचेट' जावपाची शक्यताय साप्प उणी आसता. कांय प्रसंगीक 'लिचेट' विलो लावपाच्या फोंडांत एकठांय जाता, जंय कोळश्याचे कण तळाक बसतात. निर्माण जाल्लो स्लजद नेमान निवळायतात आनी नियमां प्रमाण ताचो विलो लायतात. आमचे सुविधेंत स्लज केक वितरण जायना. कितेंय जाल्यार प.प्र.त. अहवालांत सल्लो दिवपी माहितीचीच नोंद जाता, अनिवार्य अंमलबजावणे खातीरचे न्हय.
h.	तशेंच कोळसो सकयल बसपाचें प्रमाण लेगीत कंपनीन थरोवंक ना.	कोळसो तळाक बसोवपा खातीर ते खातीर मारिल्ल्या फोंडांनी सोडटात.
i.	अदानी अबॅट पॉयन्ट कोल पोर्ट, ऑस्ट्रेलिया हांगा आडयाळ्या पावसाक लागून घडिल्ली वा जहाज बुडिल्ल्यान घडिल्ली आपत्ती (देखीक मुंबय दर्यांत बुडिल्ली अदानीची बोट) सामकारावपी आपत्ती वेवस्थापन येवजण कंपनी कडेन तयार ना.	मान्सूनांतधरून सगळ्या वेळार कार्गो रितीन जलरोधी धांपण्यांनी दवरतात. सांठयल्ले अवस्थेंत कार्गोंत पावसाचें उदक वचपाची शक्यताय आसना. देखून 'लिचेट' जावप शक्य ना. बंदराचो सांबाळ ही एम.पी.टी.ची जापसालकी आशिल्ल्यान समुद्री उपक्रमांचेर तांचे नियंत्रण आसता, एस.डब्लू.पी.एल.चो जलवहन, जहाजांची हालचाल आनी हेर संलग्न उपक्रमांचेर नियंत्रण आसना.
j.	बंदराचेर बलास्ट उदक (उफेवणी उदक) वेवस्थापन यंत्रणा ना. प.प्र.त. अहवालांतली सुचोवणी(बलास्ट उदक दर्यांत सोडूंक मेळचें ना)	उफेवणी उदका संबंदांतल्यो सुचोवण्यो जहाजांक एम.पी.टी. कळीत करता आमचे माहिती प्रमाण तांची अंमलबजावणी जाता.

	फकत निर्धारीत बर्थाचेरच बलास्ट उदक सोडूंक मेळटलें – ह्या मुरगांव बंदर नियम, 1966 च्या विरोधांतली आसा. प्र.प्र. न स्राव नियंत्रण स्तरां विशीं कांयच उल्लेख केल्लो ना.	
k.	हो वाठार संवेदनशील आशिल्ल्यान स.डा., ना.ऑ. नियंत्रीत जावन जो मेरेन हो वाठार स्राव नियंत्रीत वाठार म्हूण घोशीत जायना तो मेरेन एम.पी.टी.न विस्तार करूंक जायना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
l.	ट्रक आनी ट्रेनींक लागून जावपी स्रावांचे वाडीचो विचार कंपनीन करूंक ना.	प्रकल्पांत सद्या कार्गोची येरादारी रस्त्यवेयल्यान जायना आनी प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाच्या पांवड्यार लेगीत ती अपेक्षीत ना. सगळे वटेन दोरयेन सीलबंद करपा सयत, चल वॅगन लोडींग यंत्रणां वापरून लोडिंगाचो वावर सुरू जाले बराबर सगळ्या कार्गो व्हरपी रेल्वे दब्यांक धांपपाचो वावर पुराय जाता, जाका लागून कार्गोतल्यान भायर धुल्ल हुबूंक पावना. हो एक शुन्य-अपवाद आनी शून्य-दोश उपक्रम जावन आसा, जो प्रकल्प प्रस्तावक भोवच कडकपणान राबयता.
m.	नुस्तेमारीचेर जावपी प्रभावाचो विचार करूंक ना. एम.पी.टी.चे 08-09-2010 तारखेक जाल्ले 24 वे ट्रस्टी मंडळाचे चवथे बसकेंतल्या कार्यवृत्तांतांत एम.पी.टी.च्या अध्यक्षांनी फुडल्या देड वर्सात खारीवाडो जेटी हालयतले अशें म्हणलां. झुवारी न्हंयेंत चडकरून नुस्तेमारी उरची ना अशेंय तांणी म्हणलां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
n.	अमोनिया/नाफ्था लागी आशिल्ल्यान जो धोको निर्माण जाला तो आपत्ती वेवस्थापन येवजणेन नियंत्रणांत येवचो ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
o.	देखून, हो प्रकल्प वर्सूयभर चलपाचो आशिल्ल्यान, वॅप्कोसान तयार केल्लो तात्काळ प.प्र.त. अहवाल अपर्याप्त आसा. हो प्रकल्प भोवच घातक आनी पर्यावरणी नदरेन अशक्य आसा हें दिश्टी पडटा आनी देखून तो रद्द करूंक जाय.	साबार तरांच्या प्रकल्पांचे अणभव आशिल्ली वॅप्कोस ही एन.ए.बी.ई.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा. संदर्भ संहितांचे फासकेंत रावन प.प्र.त. अहवाल भोवच बारीकसाणेन तयार केला.
p.	वॅप्कोसाच्या प.प्र.त. अहवालांत साबार दोश आसात ते दाखोवन दिले (लिखीत सादरीकरण पळोवचें). हो अहवाल प्र.प्र.कडेन झुकिल्लो आनी साबार तथ्यां शेणयल्लो आनी असत्य आसा अशें म्हणप चुकीचें थारचेंना, जाचे खातीर वॅप्कोसाचेर दक्षताय कारवाय करप गरजेचें आसा.	जुस्ताजुस्त आनी प्रकल्प-विशिश्ट व्याप्ती, प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो अतिरिक्त सं.सं., क्षेत्र-विशिश्ट प.प्र.त. मार्गदर्शक पुस्तिका आनी क्षेत्र-विशिश्ट सं.सं. हांचेर आदारून हो प.प्र.त. अहवाल तयार केला.
2. श्रीमती जुडीथ आल्मेदा		

a.	हे भौशीक सुनावणेक सरकारान पिवपाचें उदक दिवंक ना म्हूण निशेध व्यक्त केलो. लोकांक प्र.प्र.कान दिल्लें उदक नाका. लोकांचो स्वाभिमान काडून घेवचो न्हय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	प्रदुशण मंडळाक हाचे आदीं इतलीं वर्सां मायनिंगाक लागून जाल्लें धुल्ल प्रदुशण नियंत्रीत करपाक अपेस आयलां. आनी देखून कोळसो हाताळणी प्रकल्प विस्तारा उपरांत जाल्लें प्रदुशण लेगीत आडावपाक जावचेंना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	गोंयच्या झाडांचेर कोळश्याचो थर बसतलो आनी तांचें पांचवेचारपण नश्ट जातलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	चड कोळसो हाताळणेक परवानगी दिवचे पयलीं, मायनिंगाचें आनी उद्देगांक लागून जाल्लें प्रदुशण गों.रा.प्र.नि.मं.न पयलीं आडावचें. जोमेरेन जाल्लें नुकसान भरून येना, तो मेरेन प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावाचो प.रा.ह.ब. मंत्रालयान विचार करचो न्हय. तो मेरेन आपूण विस्ताराचो निशेध आनी विरोध करतां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
3.	सिद्धार्थ कारापुरकार	
a.	रेल्वेच्या रुळांचें दुपेटीकरण करूंक कंपनीन रान खात्याक अर्ज केला, ताचो प.प्र.त. अहवालांत कांयच उल्लेख ना.	प्रकल्प प्रस्तावकान रेल्वेच्या दुपेटीकरणाचो खंयचोय प्रस्ताव दवरिल्लो ना. सद्याच्या प्रस्तावीत पुर्ततांय करपाक सद्या उपलब्ध आशिल्ल्या ट्रॅकांची उर्वरीत क्षमताय फावो तितली आसा देखून ही सुविधा ट्रॅकांच्या दुपेटीकरणा सावन स्वतंत्र आसा.
b.	रेल्वेचें डबल ट्रॅकिंग जातलें तेन्ना 100 वयर घरां ताका लागून वतलीं.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	खनिजाची वाहतूक करपा खातीर जी ताडपत्री वापरतात ती फावो तितली ना.	प्रकल्पांत सद्या कार्गोची येरादारी रस्त्यवेयल्यान जायना आनी प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाच्या पांवड्यार लेगीत ती अपेक्षीत ना. सगळे वटेन दोरयेन सीलबंद करपा सयत, चल वॅगन लोडींग यंत्रणां वापरून लोडिंगाचो वावर सुरू जाले बराबर सगळ्या कार्गो व्हरपी रेल्वे दब्यांक धांपपाचो वावर पुराय जाता, जाका लागून कार्गोतल्यान भायर धुल्ल हुबूंक पावना. हो एक शुन्य-अपवाद आनी शून्य-दोश उपक्रम जावन आसा, जो प्रकल्प प्रस्तावक भोवच कडकपणान राबयता.
d.	ह्या अहवालांत कोळसो हाताळणेक लागून जाचेर परिणाम जातलो त्या दाबोळी विमानतळाचो अजिबात उल्लेख करूंक ना.	दाबोळी विमानतळाचो उल्लेख पाठ 1 : प्रस्तावना, अनुभाग 1.4.1, पान नं. 1-6 भितर केला. एस.डब्लू.पी.एल. टर्मिनलाच्या वावराचो विमानतळाचेर परिणाम जावपाची शक्यताय ना, हाचें कारण तो थंयच्यान भोवच पयस आसा.

e.	रेल्वे दुपेटीकरणाक लागून गोंयांतली गांवां तिभागून वतलीं.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	थर्मल एनर्जी सौर उर्जे परस जायती म्हारक आसता. हरीत उर्जेक पोसवण दिवपा वांट्याक आमी प्रदुशणकारी उद्देगांक प्रोत्साहन दितात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	कंपनीच्या प्रस्तावाक लागून कोळसो प्रदुशण जातलें, जें प्रधानमंत्र्यांचे स्वच्छ भारत घोशणेच्या विरोधांत आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
h.	कोळसो येरादारींत वाड जाल्ल्या कारणान डिजेलाचो चड वापर जावन ध्वनी आनी हवा प्रदुशणांत वाड जातली.	प्रकल्पांत सद्या कार्गोची येरादारी रस्त्यवेयल्यान जायना आनी प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाच्या पांवड्यार लेगीत ती अपेक्षीत ना.
i.	प्रधानमंत्र्यांनी आंतरराष्ट्रीय संमेलनांत 40 टक्के जिवाश्म इधन उर्णे करपाचे समजिकायेचेर निशाणी केल्या, जाल्यार आमी गोंयांत कोळसो कित्याक हाडटात?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
4.	फियोला रिगो, आदल्यो नगर सेवक, खारीवाडा, वास्को	
a.	गोंयांत येता तो कोळसो गोंयांत वापरनात, जाल्यार तो कर्नाटकांतवता. हो कोळसो कर्नाटक राज्यांतल्या बंदरांतल्यानच थंय व्हरचो.	2004 सावन चालू आशिल्या उपक्रमाचेंच हो प्रकल्प म्हणल्यार आधुनिकीकरण जावन आसा.
b.	ड्रेजींग उपक्रमाक लागून खारीवाड्या वयलीं घरां कोसळटलीं.	प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाचो वांटो म्हणून प्रकल्प प्रस्तावकान कसलेच तरेच्या ड्रेजिंगाचो प्रस्ताव दवरूंकना. आधुनिकीकरण आनी परिणामी भमताय वृद्धी ही ड्रेजिंगा पासून स्वतंत्र आसात.
c.	शियाळ्यांत चड वारें आशिल्ल्यान, खारीवाड्याचेर लोकांक जनेलां बंद दवरचीं पडटात.	कोळश्याच्या राशींक दोन स्तरीय राखण आसता. त्यो पुराय रितीन धांपिल्ल्यो आसतात आनी राशी दाळटना वा उसपितना तांचेर उदक फवारणी करतात. दुसरें म्हणल्यार पर्याप्त आकाराच्या वारो आडोवपी पड्ड्यांनी हो वाठार रेंवडायल्लो आसता, जाका लागून राशींतल्यान धुल्ल पातळणी जायना.
d.	एम.पी.टी.च्या बंदरा विशींच्या अभ्यासांत उदक प्रदुशण जाल्ल्याचें दिश्टी पडलां.	विधान सारकें ना आनी ह्या प्रकल्पाच्या प्रस्तावकाच्या आधिकास्क्षेत्रांत बसना.
e.	ट्रकांतल्यान कोळश्याची रातची येरादारी करपाचो एम.पी.टी.चो प्रस्ताव सारको ना. रातचें लेगीत प्रदुशण जातलें आनी तें नागरिकांचेर आनी तांचे भलायकीचेर परिणाम करतलें.	3.ज.क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	एम.पी.टी.न धांपिल्ल्या कंटेनरांनी कोळश्याची हाडव्हर करूंक जाय.	3.e.क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
g.	धुल्ल आडावपा खातीर केल्ली उदक फवारणी वेवस्था फावो तितली ना. उदकांत धुल्ल सकयल बसता आनी सुकतकीच परत वयर हुबता.	4. सी..क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

h.	एम.पी.टी.च्या क्वार्टर्सांतलें सांडपाणी उक्ताडार व्हांवता. कंपनी आपल्या क्वार्टर्सांतलें उदक नियंत्रीत करूंक शकना जाल्यार कोळश्या हाताळणेंतलें सांडपाणी कशें आडायतली?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	तशेंच वास्कोकारांचेर ह्या प्रकल्पाच्या जावपी परिणामांचो कसलोच अभ्यास कंपनीच्या सादरीकरणांत ना.	प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण काटेकोर पणान सादर केल्लो प.प्र.त. अहवाल तयार केला.
5.	**श्री. सावियो कुरैय, मांगोर हिल, वास्को**	
a.	प्रकल्प प्रस्तावकान फकत प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून जावपी पर्यावरणी परिणाम सांगल्यात. शेजारच्या बर्थांतल्या आनी भुगोलीक वाठारांतल्या हेर सगळ्या प्रकल्पांक लागून जावपी एकवटीत परिणाम दाखोवंक नात.	प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अहवाल तयार केला. प.रा.ह.ब. मंत्रालयान घालून दिल्ल्या मानकां आनी नियमां प्रमाण प्रभाव मुल्यांकना खातीरची माहिती एकठांय केल्या.
b.	प्र.प्र.न प.प्र.त. अहवालांत पर्यावरणी सत्य घडणुकांचें चुकीचें विश्लेशण केलां आनी माहिती लिपोवन फटींगपणां केल्यांत.	आरेखन पांवड्यार, प्रकल्पाची व्याप्ती आनी मेजमाप हांचेर पर्यावरणी घटितांची मोलावणी पुराय रितीन आदारून आसता. जारी केल्ल्या सं.सं.चेर आदारून विस्तृत पर्यावरणी प्रभाव तपासणी केल्या.
c.	फॉर्म I च्या, परिशिश्ट-IX भितर पर्यावरणाचेर प्रकल्प वावराक लागून कांयच प्रभाव जावचे नात अशें विधान प्र.प्र.न केलां आनी देखून हो अहवाल लोकांची दिशाभूल करपी आसा, देखून ही भौशीक सुनावणी रद्द करची.	सद्याचो प्रस्ताव आधुनिकीकरण आनी परिणामी उत्पादन वाडी खातीर आसा. बऱ्या तरेच्या उपकरणांक आनी वावराचे पद्दतीक लागून प्रदुशणाचे स्तर उणे जातले. त्याभायर भोंवतणेचे हवेची नियमीत तपासणी करपी चालू स्थितिंतल्या बंदरांत हो प्रकल्प आसा. देखून खंयचीय माहिती लिपोवन दवरपाचो प्रस्नच ना आनी प.रा.ह.ब. मंत्रालयान मान्यताय दिल्ल्या सं.सं. प्रमाण तयार केल्ल्या प.प्र.त. अहवाला कडेन आनी बांधील आसात.
d.	तांणी सैमीक संसाधनांच्या वापरा संबंदान अनुसुची I, परि. 2 चो संदर्भ दिलो.	प्रस्तावांत चड प्रमाणांत नागरी बांदकामाची गरज नाशिल्ल्यान सैमीक साधनांचो उण्यांत उणो वापर, चडकरून शून्य वापर जातलो.
e.	कंपनीक फकत कोळश्यांचेर मारपा खातीर दिसाक सात लाख लिटर उदक लागतलें, पूण गोंय राज्यांत आनी खासा करून वास्को शारांत उदकाची कमतरताय आसा.	फॉर्म-1 भितर अनुमानीत 700 कि.ली./दीस उदकाची धुल्ल-दमना खातीरची गरज सांगल्या. प.प्र.त. अहवालाच्या अनुभाग 5.3.2, पान 5-15 भितर उल्लेख केल्ले प्रमाण, हें प्रमाण 500 कि.ली./दी. मेरेन देंवयलां. पोर्ट टर्मिनलाचेर सद्याक 200-250 कि.ली./दी. एम.पी.टी.च्या सां.प्र. 3.तल्यान प्रक्रियाकृत सांडपाणी वापरता. उदकाची अतिरिक्त गरज भौ.बां.खा.न चलयल्ल्या 2300 कि.ली./दी. सी.ई.टी.पी. उद्देगांतल्यान भागयतले.

f.	प.रा.ह.ब. मंत्रालयान 19.06.2015 च्या परि. 3 वरवी दिल्ल्या संदर्भ संहिता प्रमाण कंपनीन जियोडिसीट पॅराबोलीक डोम वापरपाक जाय आशिल्ले. पूण कंपनी फकत ताडपत्री वापरतात. कंपनीन प.रा.ह.ब.मंत्रालयाचे सुचोवणे प्रमाण कोळश्याचे शेडीचो लेगीत विचार करूंक ना.	ही एक वेव्हारीक सुविधा आशिल्ल्यान पूर्व-अभियांत्रिकीकृत धांपिल्ले रचणुकेचो विचार चालू आसा. धांपिल्ले शेडीची कार्यवाही आनी उबारणेंत धोके आसतात. होच प्रस्ताव प.प्र.त. सांदरीकरणा वेळार ई.ए.सी., प.रा.ह.ब. मंत्रालयाक भेटयतले आनी तांची मान्यताय आनी शक्यतायेचेर आदारून बांदकाम हातांत घेतले.
g.	जयगड हांगा कंपनीन शेड बांदल्या ती तांचे कम्प्यूटर खराब जातात म्हणून. तशे तरेचे यत्न वास्कोंत कित्याक करूंक नात?	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना. पूण ह्या संदर्भाच्या उरफाटें, आमचो जयगड उद्देग चारूय वटांनी धांपिल्लो आसा आनी तांतूतल्यान धुल्ल भायर हुबना. एका अर्थान तो देसांतलो एक आदर्श प्रयोग आसा.
h.	कंपनीचें रेल्वे रॅक सुमार 415 कि.मी.चेर कोळश्याची येरादारी करतले. कंपनीन हे येरादारीचो पर्यावरणाचेर जावपी प्रभाव विचारांत घेवंक ना. खासा करून हो मार्ग संवेदनशील पश्चीम घाटांतल्यान वता. येरादारी संबंदान तांणी सकयल्यो सुचोवण्यो कल्योः	कार्गोची रेल्वेंतल्यान येरादीर टर्मीनल सुरू जाल्ले पसून चालू आसा. रेल्वेची वाहतूक प्रकल्प प्रस्तावकाचे अखत्यारींत येना, जाल्यार ती भारतीय रेल्वेची जापसालकी आसा.
	• रेल रॅकाचेर संवसारीक पांवड्या वयल्या पद्दती प्रमाण फायबराचे लीडस धांपपाक जाय.	3.e. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
	• ताडपत्रेन वॅगन धांपप. मान्य ना.	3.e. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
	• वॅगना वयलो पॅरासिटीक लोड हवेंत हुबता तशेंच परततना ताचेर उरिल्लो कोयरूय हवेंत हुबता. तो उणो करपाची यंत्रणा उपलब्ध ना.	वॅगन टिपलर यंत्रणा वापरून गन्तव्य थळाचेर वॅगन पुराय पणान रित्यो करतात. ट्रेन कार्गोंत परततना कसलोच अवशेशी माल उरना. चडशे फावटी ते परततना लेगीत माल हाडटात, देखून त्यो सारक्यो रित्यो केल्या नात, जाल्यार परतनाचो माल खराब जातलो.
	• रॅक वतले येतले लायनीचेर तपासणी केंद्र बसोवपाक जाय आनी ताचो खर्च कंपनीन करपाक जाय आनी ताची देखरेख गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान करपाक जाय.	प्रकल्प प्रस्तावक हे बाबतींत गों.रा.प्र.नि.मं.चे आदेश मानून घेतलो.
i.	कोळसो हाताळणी वाडटकीच रॅकांची संख्या वाडटली आनी ताका लागून रेल्वे क्रॉसिंगाचेर गर्दी जातली. सगळ्या मुखेल क्रॉसिंगांचेर ओवर ब्रीज बांदचे.	रेल्वे वाहतूक आनी येरादारी वेवस्थापन प्रकल्प प्रस्तावकाच्या अधिकारक्षेत्रांत आनी नियंत्रणा खाला ना.

j.	कंपनीन आतां मेरेन पर्यावरण नेमांची मात लेगीत पुर्तताय करूंक ना. राज्य सरकारान विधान सभेंत कंपनीच्या पर्यावरणी पुर्तताये विशीं आपूण समाधानी ना अशें सांगला. देखून प्रदुशण नियंत्रण मंडळान तांकां कोळसो हाताळणी कमी करपाक सांगल्या. अशे स्थितींत प्रकल्प प्रस्तावकाक विस्तार करपाक कसो दिवं येता? जो मेरेन गों.रा.प्र.नि. मंडळान स्रोत अभ्यास करूंक ना, तो मेरेन कंपनीक विस्ताराक मान्यताय दिवपाक जायना. तांणी सकयल्ले मुद्दे मांडलेः	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	• ही प्रकल्प सुवात सी.आर.झेड. वाठारांत पडटा. तांची परवानगी घेवंक ना.	सी.आर.झेड. मान्यताये खातीर एस.डब्लू.पी.एल.न जी.सी.झेड.एम.ए.क अर्ज केला.
	• चिखली सांकवाळ खाडीच्या जैव-विविधतायेचेर जावपी पर्यावरणी प्रभावाचो अभ्यास करूंक ना.	हो प्रस्ताव सद्याचे सुविधेच्या आधुनिकीकरणा खातीर आसा. नवें क्षेत्र वा उदकांतली सुवात गरज पडची ना. देखून, संभाव्य प्रभावाची तपासणी आनी मोलावणी जाल्ली आसली तरी प.प्र.त. अहवालांत ती दिवंक ना आनी तिचो आसपाव अंतीम प.प्र.त. अहवालांत करतले.
	• प.रा.ह.ब. मंत्रालयाच्या 30.05.2012 च्या पत्रा प्रमाण पुर्तताय अहवाल प्रकल्प प्रस्तावकान भेटोवंक ना.	ई.सी. पूर्तताय नेमां प्रमाण नियमीतपणान करतात. बेंगलोरच्या प.रा.ह.ब. मंत्रालयाच्या आर.ओ. कडल्यान पुर्तताय दाखलो मेळपाची प्रक्रिया चालू आसा.
k.	2001 वर्सा पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयान राज्य सरकारा कडल्यान बांदकामा खातीर लायसन्स घेवपाक सांगिल्ले. ह्यो खंयच्योच गजाली तांणी पुराय करूंक ना.तांणी पयल्या इ.सी.चे उल्लंघन केलां आनी हाचे फुडें लेगीत ते करीत रावतले.	कंपनीक 24 जानेवारी, 2001 दिसा जारी जाल्ले ई.सी.न. आपल्या अट(i) भितर "बांदकाम उपक्रमां कडेन संबंदीत सगळ्या आरचनांक/आरेखाटनांक संबंदीत सरकारी खातीं/ गोंय राज्य सरकाराच्यो सगळ्यो यंत्रणा" हांची मान्यताय गरजेची अशे म्हणला. हो प्रकल्प मुरगांव पोर्ट ट्रस्टाच्या अधिसुचीत उद्देगीक वाठारांत आस्पावता आशिल्ल्यान, गोंय सरकाराच्या हेर खंयच्याय खात्या कडल्यान परवानगी घेवप लागू जावंक ना. हरीतपट्टो विकासा संबंदी, आमी सकयल दिल्ल्यो गजाली नदरेक हाडून दिवंक सोदतातः 1. प्रकल्प थळाचेर 700 झाडांचो आसपाव आशिल्लो 1400 मी2 चो हरीतपट्टो विकसीत केला. 2. हरीतपट्टो विकासाची गरज सामान्यपणान पुराय बंदर वाठारा वेल्यान थारायतात. बर्थाप्रमाण ताची विभागणी कार्यान्वयन गजालींक लागून खूबशे फावटी शक्य जायना. पूण पुराय वाठार पांचवोचार आनी हुबपी धुल्ल आडावन दवरपी जातलो हे खातीर सगळे तरेचे यत्न करतले.
6. **ॲड. श्रीधरन**		

a.	वास्कोच्या नागरिकांनी दोन वर्सा पयलीं हायकोर्टांत दाखल केल्ले केसीक लागून कंपनीच्या प्रदुशणाचे स्तर वाडिल्ल्याचें कोर्टाचे नदरेक आयलें. फायर स्टेशन, वीज खातें आनी एम.पी.टी. केंद्रांचेर झाडां आनी बिल्डिंगांक लागून सांवट येता. ताका लागून स्तर मेजणी चुकता. देखून थंयचीं केंद्रां हालोवचीं.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	प्रदुशण नियंत्रण मंडळ ही तपासणी कित्याक करीना? नेरीच्या आदेशा प्रमाण आशिल्लें केंद्र बंद कित्याक केलें?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	हायकोर्टाचो आदेश गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान, कोळसो हाताळप्यांनी आनी सगळ्या खात्यांनी पाळूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
7.	श्री. तेर्रान्स जॉर्ज, बांबोळी	
a.	10 कि.मी. भोवतणीच्या वाठारांतल्या सगळ्या गांवांक हो अहवाल पावला काय ना? आपले माहिती प्रमाण हो अहवाल पावूंक ना. देखून ही एक पूर्व-अट आशिल्ल्यान हो अहवाल दिवंक ना म्हणून आयची सुनावणी रद्द करची अशी तांणी मागणी केली.	प.प्र.त अहवालांत 19 गांवांची वळेरी अनुभाग 3.20.1, पान क्र. 3-77 भितर दिल्या. प.प्र.त. अहवालाच्यो प्रती गों.रा.प्र.नि.मं.न विंगड विंगड सुवातांचेर दवरल्यात.
b.	तुमी मांडिल्ली हरकत नोंद करून ई.ए.सी.क आनी पर्यावरण खात्याक कळयतले अशें सभेच्या अध्यक्षांनी सांगलें.	-
c.	बाधीत गांवांक हो अहवाल आनी कार्यकारी सारांश मेळूंक नाशिल्ल्यान ते हांगां येवंक पावले ना. देखून ही आयची सुनावणी रद्द करची.	प.प्र.त. अहवालाच्यो प्रती गों.रा.प्र.नि.मं.न विंगड विंगड सुवातांचेर दवरल्यात आनी प्रकल्प वाठारांत वांटल्यात. नियमां प्रमाण, प.प्र.त. अधिसुचोवणी, 2006 चे अनुसूची III(ए) प्रमाण प.प्र.त. अहवालाच्या मसुद्याचो कार्यकारी सारांश थळावे भाशेंत उपलब्ध केला.
d.	ताजेर अध्यक्षांनी आयचे भौशीक सुनावणे विशीं इलॅक्ट्रोनीक माध्यमां, स्थानीक चॅनलांचेर लेगीत खूब प्रसिद्धी केल्ली. म्हणून तेर्रान्स हांची सुनावणी रद्द करपाची मागणी तांणी कुशीक दवरली.	-
e.	श्री. जॉर्ज हांणी आयची भौशीक सुनावणी मंडळाचे वेबसायटीचेर प्रसिद्ध करूंक नाशिल्ल्यान	हें विधान सारकें ना. प.प्र.त. अधिसुचोवणी, 2006 भितर उल्लेख केल्ले प्रमाण भौशीक सुनावणेचे प्रक्रियेक पाळो दिला.
f.	सं.सं.चो परिच्छेद 2.2 चें उल्लंघन कंपनीन केल्लें आसा.	कॅपिटल ड्रेजिंग प्रकल्प स्वतंत्रपणान चालू करपा विशीं सांगपी प.प्र.त. अहवालाच्या परिच्छेद 2.2 चें उल्लंघन जावंक ना. प्रस्तावीत आधुनिकीकरण ड्रेजिंगा सयत वा ड्रेजिंगा विणें जातलें हे गजालीचो आमी पुनरुच्चार करतात.

g.	बाधीत पंचायतींक प.प्र.त. अहवाल आनी कार्यकारी सारांश पावंक ना देखून आयजची भौशीक सुनावणी फुडें धुकलपाक जाय.	गों.रा.प्र.नि. मंडाळान वांटपाचे सगळे दुकुमेंत वांटल्यात. प.प्र.त. अधिसुचोवणी, 2006 तले प्रक्रिये प्रमाण संदर्भा खातीर अधिसुचीत सुवातांनी लेगीत कांय दस्तावेच दवरिल्ले.
	अध्यक्षांनी पर्यावरणी प्रभाव तपासणीचे अनुसूची 2.4 चेर भर दिवन सांगलें, कार्यकारी सारांश सगळ्यांक दिल्लो आसा आनी ही सुनावणी हाचे पयलीं दोन फावटी फुडें धुकल्ल्या आनी आजून मेरेन अहवाल पावूंक ना म्हूण कागाळ करपी एकूय अर्ज येवंक ना, देखून ही सुनावणी रद्द करप शक्य ना अशें तांणी सांगलें.	
8.	**फादर एरिमीतो.**	
a.	तेर्रान्स जॉर्जाच्या मता कडेन आपूण सहमत आसा. देखून ह्या प्रकल्पाचो निशेध करतां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	वास्कोंतलें आनी भोवतणीचें लोक प्रस्तावीत कोल हबाक विरोध करतात.	प्रकल्प आधुनिकीकरणाक लागून खंयचेंय 'कोल कैंद्र' प्रस्तावीत ना.
c.	वास्कोंतले कोळसो प्रदुशण गंभीर आसा. कांय व्यक्तींच्या स्वार्था खातीर सरकार अश्या प्रकल्पांक तेंको दिता.	विधान सारकें ना.
d.	पर्यटन गोंयचें महसुलाचें मुखेल साधन. कोळसो उत्पादन वाडलें जाल्यार पर्यटन काबार जातलें हाचो अभ्यास कंपनीन करूंक ना. दाबोळी विमानतळाचेर आनी पर्यटन आनी भोंवडी वेवसायांतल्या लोकांचेर हाचो विपरीत परिणाम जातलो.	आमची 1 घ. आनी 3 ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
9.	विक्रम, बायणा	
a.	आयज कामांक सुटी आशिल्ल्यान एम.पी.टीं.त कोल राशींचेर ताडपत्री धांपिल्ली ना. पॅनल मेंबरांक हें पळोवपाक तांणी ह्या वेळार आपयले. एम.पी.टी. कायद्याचें उल्लंघन करता तें स्पश्टपणान पळोवंक मेळटले.	विधान/संदर्भ सारको ना. राशी दाळपाचो आनी उसपुपाचो वेळ सोडून हेर सगळ्या वेळार आमच्यो राशी धांपिल्ल्योच आसतात. अपवादाच्या वेळार उदक फवारणी चलता.
b.	वास्कोकारांक दुर्यंसां जाल्यांत आनी सरकारी खातीं मात तांकां सहकार्य करिनात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
10.	**ॲड. ग्लेर्क डिसोझा, अध्यक्ष, सेव्ह वास्को सिटिजन कमिटी.**	
a.	खूब वर्सां सावन कोल हाताळणी वेवसायांतलें प्रदुशण उणें करपाक ह्यो कंपनी उण्यो पडल्यात. तांकां ते बाबतींत अपेस आयलां.	आमची 1 घ क दिल्ली जाप आनी हेर संबद्ध जापो पळोवच्यो.
b.	गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान आपणाक जुलाय, 2005 त गोंयांत हाडिल्लो कोळसो कर्नाटकांत धाडटात अशें बरयलां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

c.	वास्को शारांत मुखावयली कोळसो हाताळणी/विस्ताराक तांणी विरोध केलो.	प्रतिक्रिया दिवंक सोदिनात
11. आमदार श्री. आलॅक्स रेजिनाल्ड.		
a.	10 आनी 11 हे बर्थ आजुनूय चलतात.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
b.	b. कंपनीन केल्लें सादरीकरण अत्यंत बालीश आसा. गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान खंयच्याच भंयाक बळी पडनासतना निडर आनी निश्पक्षपणान वास्कोंतल्या प्रदुशणा विशीं अहवाल दिवपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	गोंयकार अधिकाऱ्यांनी आनी मंडळान आपल्या कुसैंसाक धरून काम करपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	वास्को शाराक कोल हब करपाच्या प्रस्तावाक तांणी पुराय रितीन विरोध उक्तायलो.	प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाचो उद्देग गोंयांक 'कोळसो केंद्र' करपाचो ना.
12. रॉनी डिसोझा, नुस्तेंकार.		
a.	नुस्तेंकार समाजान ह्या वेवसाया विशीं आनी तांच्या धंद्याचेर जावपी परिणामा विशीं साबार हरकती घेतल्यात. तांच्या वेवासायाचेर ह्या प्रकल्पाचो खूब परिणाम जाता. वूडचिप्स आनी जिप्सम हांकां लागून प्रदुशणांत खुबूच भर पडल्या.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
b.	हो हाताळणी प्रकल्प चालू उरतलो काय बंद पडटलो असो प्रस्न तांणी गोंय राज्य प्रदुशण मंडळाक विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	ताचेर सगळ्यो हरकती नोंद करतले आनी त्यो पर्यावरण आनी रान मंत्रालयाक धाडटले आनी ते ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवची वा ना तें थारायतले, अशें अध्यक्षांनी जाप म्हूण सांगलें.	-
13. श्री. चंद्रशेखर वस्त, वास्को.		
a.	प्रकल्प प्रस्तावक आनी हेर कोळसो हाताळपी कंपन्यो प्रदुशण नियंत्रणाचे कसलेच उपाय राबयनात. कांय उद्देजकांचेर फावोर करपा खातीर खातीर गोंय सरकार वास्कोक कोल हब करूंक भायर सरलां.	विधान सारकें ना.
b.	जर एखादऱ्या दुचाकी वाहना कडेन प्रदुशणाचो दाखलो नासत जाल्यार ताका सरकार तालांव दिता. पूण प्रदुशण करपी कंपनीचेर मात सरकार कसलीच कारवाय करीना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावाक विरोध केलो.	प्रतिक्रिया दिवंक सोदिनात
14. श्री. फ्लोरयानो लोबो, अध्यक्ष, गोवा एनवायरोमेंट प्रॉटेक्शन.		
a.	प्रकल्प प्रस्तावकाक कोळसो हाताळणेचें प्रदुशण नियंत्रीत करपाक अपेस आयला. तांकां	1. घ. क. दिल्ली जाप पळोवची

b.	कोंकणी भाशेंतल्यान हया अहवालाची प्रत संबंदीत गांवांक पावूंक नाशिल्ल्या बद्दल तांणी विरोध व्यक्त केलो.	7 ग. क. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	गोंयांत 1961 सावन कोळसो उद्देग चलता आनी सेगीत प्रदुशण करता. जर कोळसो हाताळणी थारूक ना जाल्यार वास्कोकार रस्त्यार येतले.	एस.डब्ल्यू.पी.एल.चो कोळसो हाताळणी प्रकल्प सगळ्या निर्धारीत नियमांक पाळो दितलो आनी प्रदुशण नियंत्रण सुसज्ज आसा.
d.	केंद्र सरकारान वास्कोंतल्या लोकांचेर कोळसो उद्देग थापून तांकां धमकावपाक जायना.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
e.	केंद्र सरकाराच्या हया आडमुठ्या धोरणाक लागून गोंयाक भारता पासून मुक्त करपाक जाय.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
15. ऑलेन्सियो सिमोयश, जनरल सेक्रेटरी, गोंयच्या रांपणकारांचो एकवट.		
a.	पर्यावरणी प्रभाव तपासणी अहवाल प.प्र.त.च्या 2.2 खालाच्या तरतुदी प्रमाण लोकांक उपलब्ध करूंक ना.	7 ग. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	बाधीत गांवांतल्या लोकांक थळावे भाशेंत अहवाल दिवपाक जाय आशिल्लो, तो कंपनीन दिल्लो ना.	7 ग. क. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	10 कि.मी. अंतराच्या गांवांचेर प्रकल्पाच्या जावपी परिणामांचो अभ्यास करूंक ना. बाधीत गांवांक अधिसुचीत करी मेरेन आनी थळावे भाशेंत लोकांक प.प्र.त. अहवाल उपलब्ध करी मेरेन ही सुनावणी स्थगीत करची.	10 कि.मी. आघात-प्रवण शिमे खातीर प.प्र.त. केल्या. 7 क आनी 7 ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
d.	हाचे विशीं हे आदींच निर्णय घेतला, ही भौशीक सुनावणी चालू उरतली, लोकांच्यो सुचोवण्यो नोंद करून घेतले आनी पर्यावरण मंत्रालयाक धाडटले, अशें ताचेर जाप दितना अध्यक्षांनी सांगलें.	-
e.	हे सभेंतल्यान भायर सरून जिल्ल्याधिकाऱ्यान अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्याक फुडले सुनावणेचो अधिभार दिल्ले खातीर हरकत घेतली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	कोंकणींतल्यान प.प्र.त. अहवाल नासतना लेगीत सुनावणी फुडें चालू दवरपाच्या अध्यक्षाच्या निर्णयाक विरोध केलो.	7 ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
g.	वॅपकोसान तयार केल्ल्या अहवालांत जायते संबद्ध विशय घेवंक ना देखून तांणी प.प्र.त. अहवालाक विरोध केलो.	विधान सारकें ना.
h.	आपली हरकत मानून ना घेवपाच्या अध्यक्षाच्या निर्णयाची नोंद जावची आनी ती प.रा. मंत्रालयाक निर्णया खातीर धाडची.	जाप दिवंक ना.

i.	5(ए) आनी 6(ए) बर्था वयलें धुल्ल प्रदुशण उणें करपा खातीर कंपनीन कसलेच उपाय करूंक नात.	1 घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
j.	हें कोळसो प्रदुशण इतलें गंभीर आसा, ताका लागून नुस्तेंकारांच्या फुडाराचेर परिणाम जाला. माध्यमांनी आतां मेरेन ते विशीं जायतें छापून आयिल्लें आसा. तरी लेगीत कंपनीन कसलेच तरेचे आदेश दिवंक नात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
k.	व्हडा प्रमाणाचेर कोळसो-मिश्रीत पाणी कंपनी दर्यांत सोडटा. ताका लागून दर्यांत ब्लॅक पॅचीस निर्माण जाल्यात जाका लागून वनस्पती आनी प्राणी जिवन नश्ट जायत आसा.	विधान सारकें ना. बल्क कार्गोचेर जावपी उदक फवारणी नियंत्रीत आसता आनी तें उदक कार्गोंत रिगता/मुरता. पोर्ट टर्मिनला वयल्यान कसलेंच सांडपाणी दर्यांत वचना. लिचेट आसलेंच जाल्यार तें एका सांठवण-फोंडांत एकठांय करतात, जंय गाळ तळाक बसता. तळाक बशिल्ले घनकण थरावीक अंतरान एकठांय करतात आनी तांचो सुरक्षीतपणान विलो लायतात.
l.	कंपनी दिसाक जें 7 लाख लिटर उदक वापरतली ताजे विशीं कसलोच प्रस्ताव ना.	5. ड. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
m.	इतलें व्हड प्रमाणांत उदक वापरिल्ल्यान सामान्य मनशांक उदकाचो तुटवडो निर्माण जातलो.	5.ई क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
n.	5(ए) आनी 6(ए) बर्थांचेर कोळसो हाताळणेक लागून कोळसो मिश्रीत उदक दर्यांत गेल्ल्या कारणान नुस्तेंकारांचेर परिणाम जाता. कोळश्याची दर्यातली गळटी आडावपाक कसलेच उपाय कल्ले नात.	15 ट क दिल्ली जाप पळोवची
o.	ट्रकांतल्यान कोळसो हाडिल्ल्यान धुल्ल प्रदुशण जाता तशेंच गांवांतल्या रस्त्यांची दुर्दशा जाता. प्रस्तावीत प्रकल्पांतल्यान जावपी अतिरिक्त कोळश्याची हाताळणी करूंक फावो तितली साधन सुविधा आसा?	3 ज क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
p.	वाडीव कोळसो हाताळणेक लागून थळावे जल जिणेक आनी लोकांच्या/नुस्तेंकारांच्या पोट भरपाच्या साधनाक जावपी हानी भरून काडपाक कसलोच प्रस्ताव ना.	15 ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची. भूंये वयल्या सामुग्री हाताळणे कडेन नुस्तेमारीचो कांयच संबंद ना.
q.	उजो लागप वा वादळ येवप ह्या कारणांक लागून जावपी आपत्ती सामकारावपाक आपत्ती वेवस्थापनाची कसलीच तरतूद ना.	प.प्र.त. अहवाल, पाठ 6 : धोको/जोखीम विश्लेशण आनी आपत्ती वेवस्थापन येवजण, हातूंत सैमीक आनी मनीस-निर्मीत संकश्टांचो विचार केला तशेंच तांचे खातीरची सज्जताय आनी प्रतिक्रिया येवजण तयार केल्या.

r.	प.प्र.त. अहवालांत सुरवेक कॅपिटल ड्रेजिंग अशें म्हणिल्लें तें उपरांत मेंटेनन्स ड्रेजिंग जालें. वॅपकोसाच्या ह्या चुकीच्या अहवालाक लागून एम.पी.टी.क 50 कोटी रुपयांचो दंड भरचो पडलो. वॅपकोसाच्या सद्याच्या प्रकल्प प्रस्तावकाच्या ह्या प.प्र.त. अहवालाक विरोध केलो.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
16. श्री. सिद्धेश भगत, नावेलीं.		
a.	सुनावणेच्या लोकांक उदक दिवपाक प्र.प्र.काक जमले ना. पूण कंपनी मात दिसाक 7 लाख लिटर उदक वापरूंक सोदता.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना. पूण प्रदुशण नियंत्रणा खातीर वापरपाचें उदक 2300 कि.ली./दी. क्षमतायेच्या भौ.बां. खात्याच्या सी.ई.पी.टी. तल्यान मेळयतले.
b.	वास्कोकारांचे भलायकेचेर जावपी विपरीत परिणाम पयसावपाक घेवपाचे उपाय प.प्र.त. अहवाल आनी प्र.प्र.चें सादरीकरण हांतूत सांगिल्ले नात. ह्या प्रकल्पाक जर परवानगी दिली जाल्यार वास्कोचें कोळश्याच्या केंद्रांत रुपांतर जातले.	1 क आनी 1 घ'क दिल्ली आमची जाप पळोवची. कोल केंद्र प्रस्तावीत ना. क्षमताय वाड फकत सुविधेच्या आधुनिकीकरणाचो परिणाम जावन आसा.
c.	सगळ्या लोकांच्यो भावना पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल खात्या कडेन सरकारान सारक्यो पावोवच्यो.	जाप दिवंक ना.
17. श्री. सिडनी फुर्तादो.		
a.	फिशींग ट्रॉलर बर्थ 11 चेर ट्रॉलर लायता. बर्थ 10 आनी 11 चेर कोळसो हाताळणी बंद केल्ले खातीर मंडळाची तुस्त केली. प्रदुशण नियंत्रणाचे कसलेच उपाय करीनासतना अदानी आनी जिंदाल कोळसो हाताळणी प्रकल्प चलयतात.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना. 1 घ'क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	कोळसो हाताळणी प्रकल्प आनी ताचो विस्तार हांकां तांणी विरोध केलो आनी बेगिनांत बेगीन टप्प्याटप्प्यान कोळसो हाताळणी पुराय रितीन बंद करची.	जाप दिवंक ना.
c.	जे यंत्रणेन प.प्र.त. अहवाल तयार केला तो अर्दकुटो आनी चुकीचो आसा.	वॅप्कोस ही भारत सरकाराचो उपक्रम आशिल्ली, एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा. ती प.रा.ह.ब. मंत्रालयान मान्यताय दिल्ली, साबार तरेच्या प्रकल्पांचो अणभव आशिल्ली कंपनी आसा. प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो सं.सं. आनी मानक नियमावली आनी मार्गदर्शिके प्रमाण प.प्र.त. भोवच बारीकसाणेन तयार केला.
d.	वास्कोंतले प्रदुशणाचें स्तर भोवच उंच आसात आनी ही गजाल फाटलीं कांय वर्सां चलता. कंपन्यांनी हरीतपट्टो निर्माण करूंक जाय त्या उपायांची अमलबजावणी कंपनी करीना.	विधान सारकें ना. 5 द'क दिल्ली आमची जाप पळोवची. वयर नमूद केल्ले पर्याप्त उपाय करूंक कंपनी सज्ज आसा आनी ते उपाय वयर दिल्ल्या साबार जापांनी आयल्यात.

e.	जे.एस.डब्ल्यू. आनी अदानी बंद कंटेनरांतल्यान कोळसो व्हरूंक न्हयकार दितात.	विधान सारकें ना. 3 ग'क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	पावसांत कोळश्याक लागून पुराय उदक काळें जाता अशें नुस्तेंकारांक दिश्टी पडलां. ताचेर मंडळान कारवाय करची आनी ल्हवू ल्हवू कोळसो हाताळणी बंद करची.	कोळश्यांच्यो राशी उदकरोधी धांपण्यांनी धांपून दवरतात आनी त्यो कोंसळच्यो न्हय म्हणून आरत्यो-परत्यो प्रतिबंधक धडो बांदतात. देखून कोळश्याच्या राशींतल्यान प्रवाह अपेक्षीत ना. पावसांत तशी व्हांवती आसलीय जाल्यर ती सकयल्ल्या फोंडांत/टांकयेंत एकठांय करतात. अशे तरेन कोळसो हाताळणेंतल्यान सांडपाणी व्हांवतेची शक्यताय नाच म्हणल्यार जाता.
18. श्री. गांधी हॅनरीक्स, वास्को.		
a.	आयची सुनावणी एन.जी.टी.च्या 2/9/2016 तारखेच्या निकालाक लागून घडटा.	विधान सरकें ना. प्रस्तावीत प्रकल्पाचो केन्नाच एन.जी.टी. मुखार संदर्भ येवंक ना.
b.	एन.जी.टी.न प.रा. मंत्रालया कडल्यान ड्रेजिंगा खातीर इ.सी. मागून घेतिल्ली. पूण एन.जी.टी.न ती दिवंक ना.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
c.	तीन दीस चलिल्ले भौशीक सुनावणेक विरोध केलो.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
d.	हाचे पयलींत 60% ड्रेजिंगाचें काम जर जाल्लें आसा जाल्यार ही सुनावणी जायच तरी कित्याक?	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
e.	लोकांच्यो हरकती मानून घेतल्यो जाल्यार एम.पी.टी. हे सुवातेक मुळावे स्थितींत हाडटली व्हय?	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
f.	ह्या प्रकल्पाच्या विस्ताराक आपलो खर विरोध आसा.	जाप दिवंक ना.
19. श्रीमती स्वाती केरकार, केरी, फोंडें.		
a.	वास्को एक कोळश्याचे केंद्र जातलें म्हणून आपूण ह्या प्रकल्पाक विरोध करतां.	वास्कोचें 'कोळसो केंद्रांत' रुपांतर जाता ह्या मता कडेन आनी सहमत ना. उत्पादनांतली वाड ही कुशळटाय वाडिल्ल्यान आनी पोन्नी उपकरणां बदलिल्ल्यान आसा.
b.	आयज सोनशी गांवांत जें प्रदुशण जालां तें बंद करपाक लेगीत प्रदुशण नियंत्रण मंडळाक अपेस आयिल्लें आसा. जाल्यार कोळसो हाताळणेचें प्रदुशण कशें कितें बंद करतलें?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	सरकारी खातीं काम करीनात जाल्यार वास्कोचें लोक रस्त्यार येतले आनी आंदोलन करतले.	जाप दिवंक ना.
d.	मंडळाक राज्यांतलें आनी कोळसो प्रदुशण नियंत्रण करपाक अपेस आयलां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	राज्य आनी केंद्र सरकार लोकांचेर जे.एस.डब्ल्यू. सारके प्रकल्प थापतात.	जाप दिवंक ना.
f.	सरकारी अधिकाऱ्यांनी लोकांचे वटेन काम करचें, लोकांच्या विरोधांत न्हय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

g.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक आपलो खर विरोध तांणी उक्तायला.	जाप दिवंक ना.
20. श्री. डॉम्नीक नोरोन्हा.		
a.	तांणी ह्या प्रकल्पाक विरोध उक्तायलां.	जाप दिवंक ना.
b.	अहवालांत घेतिल्ली म्हायती 2011 च्या जनगणने प्रमाण घेतल्या देखून ती पोन्नी आसा. देखून तिचेर विस्वास दवरपाक जायना कारण आयज आमी 2017त आसात. देखून नवी माहिती घेवन प.प्र.त. अहवाल परतून बरोवचो.	पर्यावरणी मुळाधार स्थिती खातीर दुय्यम स्रोत म्हूण 2011 ची जनगणना माहिती वापरल्यात, जें प.प्र.त. मार्गदर्शिके प्रमाण आसा आनी ती एक सर्वमान्य पद्धत जावन आसा. प.प्र.त. भितर प्रत्यक्ष दखलपात्र समाजीक प्रभाव दिश्टी पडूंक नाशिल्ल्यान, मुळावी माहिती संकलीत करूंक ना.
c.	कंपनीन ज्या 19 गांवां विशीं अभ्यास केला तांची नांवां विचारलीं.	पाठ 3 भितर उल्लेख केल्ले प्रमाणची नांवां (पर्यावरणी मुळाधार स्थिती) प्रकल्प-प्रस्तावकान वाचून दाखयली.
d.	कंपनीच्या प्रस्तावकान तांकां तीं नांवां वाचून दाखयलीं.	20 ग'क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	प.प्र.त. अहवालांत अभ्यास केल्ल्या गांवांचीं नांवां येवंक नात. ताका लागून हो अहवाल चुकीचो थारता.	प.प्र.त. अहवालाच्या पाठ 3, अनुभाग 3.20, पान क्र. 3 - 77 चेर प्रकल्प वाठाराची समाजीक-अर्थशास्त्रीय वळख घडयल्या.
f.	थळाव्या लोकांचेर जावपी समाजीक-अर्थीक परिणामां विशीं अहवालांत उल्लेख ना.	ही माहिती प.प्र.त. च्या पाठ 4 अनुभाग 4.4 पान क्र. 4-17 मदीं दिल्या.
g.	संबंदीत थळाव्या पंचायतिंनी ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिल्ली ना.	प.प्र.त. खातीर, खासा करून जेन्ना तो अधिसुचीत बंदर वाठारांतलो प्रकल्प आसता, तेन्ना ताका थळाव्या प्राधिकरिणींचे मान्यतायेची गरज आसना.
h.	थळाव्या खात्यांनी लेगीत ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिल्ली ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	आतां मेरेन गोंयची धारण-क्षमताय (कॅरियींग कॅपॅसिटी) थारावंक ना. ती बेगिनांत बेगीन थळाव्या सरकारी अधिकाऱ्यांनी थारावची.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
21. श्री. सायमन परेरा, वास्को.		
a.	अदानी कंपनीन ऑस्ट्रेलियांत केल्ल्या जायत्या बेकायदेशीर वावराक लागून तांकां भोवच दंड घातला.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
b.	ते तुळेन भारतांत मात तांचेर प्रदुशण केल्ले खातीर कांयच कारवाय जायना.	विधान प्कल्पा कडेन संबद्ध ना.
c.	राज्य सरकारान ऑस्ट्रेलिया सरकारा भशेनूच कारवाय करची. तशेंच ह्या प्रकल्पा संबंदान 10 कि.मी. वाठारांतल्या लोकांचो ओपिनियन पोल घेवचो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	भौशीक सुनावणी घेवप म्हळ्यार वेळ, पयसो आनी शक्त फुकट घालोवप	जाप दिवंक ना.

e.	कोळसो हाताळणेक वास्कोच्या इतल्या लोकांचो विरोध कित्याक आसा? हाचो अध्यक्षांनी विचार करचो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	कंपनी करता ती उदक फवारणी धुल्ल प्रदुशण उणें करपा खातीर न्हय, तर कोळश्याक लागून लागपी उजो पालोवपा खातीर आनी कोळश्याची ओलसाण राखपा खातीर.	विधान सारकें ना. राशिंतल्या कोळश्या भितर जेन्ना व्हडा प्रमाणांत सल्फर आसता आनी जेन्ना तो व्हड काळ सांठावन दवरतात, तेन्नाच ताका उजो लागूं येता. एस.डब्लू.पी.एल. टर्मिनलाचेर मुखलेपणान कोक आनी थर्मल कोलाची हाताळणी जाता, देखून ताका उजो तागपाची शक्यताय साप्प उणी आसा. तरी लेगीत, कोळसो टर्मिनलाचेर 10 दिसां परस चड तेंप उरना. ताका लागून पेट घेवपाची शक्यताय आनीकूय उणी जाता. देखून दक फवारणी उजो पालोवपा खातीर न्हय तर प्रदुशण उणावपा खातीर करतात.
g.	वास्को टायम बॉम्बाचेर बसलां आनी तें नाफ्था टांकयो आनी अमोनिया टांकयो तशेंच कोळश्याच्यो राशी हांणी घेरलां. जर खात्यांनी हे गजालीचेर कारवाय करूंक ना जाल्यार वास्कोचे लोक कोर्टांत वतले.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध नाशिल्ल्यान जाप दिवंक ना.
h.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
22. श्री. रुपेश शिंक्रे.		
a.	भारताच्या प्रधाण मंत्र्यांनी पॅरिस परिशदेंत 2015 वर्सा फुडाराच्या पिळग्यां खातीर जिवाश्म इंधन राखून दवरपा खातीर ताचो मर्यादीत वापर करतले अशी घोशणा केल्या.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
b.	प्रकल्प प्रस्तावकान जिवाश्म इंधनांचो वापर केल्ल्यान हवामानाचेर विपरीत परिणाम जातलो आनी ग्लोबल वॉर्मींग जातलें.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
c.	एके वटेन प्रधानमंत्री हो विचार करता जाल्यार दुसरे वटेन कंपनी मात कोळश्याची हाताळणी 400%नी वाडयता. हें प्रधानमंत्र्यांच्या धोरणा कडेन पुराय रितीन विपरीत आसा.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
d.	पॅरीस हांगा जाल्लें प्रधानमंत्र्यांचें उलोवप पळयलें जाल्यार गोंयांतलीं कोळसो हाताळणी फेडआवट करची पडटली.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
e.	हवामान अभ्यास आनी ग्लोबल वॉर्मींग हांचेर प.प्र.त. अहवालांत पुराय रितीन दुर्लक्ष केलां.	जाप दिवंक ना.

f.	हे तिनूय प्रकल्प एकूच प्रकल्प आसात. देखून तीन वेगळ्यो सुनावण्यो घेवपाची गरज नाशिल्ली. हें तांणी वॅपकोसाच्या अहवालाच्या परिच्छेद 2.2 चो संदर्भ दिवन सांगलें.	प.प्र.त. भितर उल्लेख केल्ल्या प्रमाण (पाठ 2 अनुभाग 2.2) सद्याच्या हाताळणी यंत्रणेची कुशळटाय वाडोवन तशेंच वाहक पट्ट्याची गती आनी रेक परतुपाचो वेळ सुधारून क्षमताय वृद्धी वाडयतले. अशे तरेन वाडीव क्षमताय हो बरे आनी चड कुशळ हाताळणी पद्धतींचो परिपाक आसतलो. एम.पी.टी.न प्रस्तावीत केल्ल्या ड्रेजिंग प्रकल्पाचेर हो प्रकल्प अवलंबून ना पूण व्हडली जहाजां आयिल्ल्यान एस.डब्लू.पी.एल.क ताचो फायदोच जातलो.
g.	तीन सुनावण्यो घेवन राज्य सरकारान गोंयच्या लोकांची फटवण केल्या.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
h.	प्रस्तावीत प्रकल्प गोंयच्या भल्या खातीर न्हय तर कांय उद्देगांच्या फायद्या खातीर आसा.	जाप दिवंक ना.
i.	प्रस्तावीत प्रकल्प मान्य करचे पयलीं प्रतिबंधात्मक उपाय घेवपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
j.	प्रस्तावीत प्रकल्पाची गरज तपासपाचे नदरेन, गोंयच्या धारण क्षमतायेचो अभ्यास तशेतरेच्या उद्देगां खातीर सरकारान आतां मेरेन करूंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
k.	सर्वोच्च न्यायालयान 2000 सीसीच्या डिजेल इंजिनांचेर बंदी घातल्या. राष्ट्रीय राजधान्यांनी ट्रकांच्या प्रवेशांचेर बंदी घातल्या. तशेंच बी.एस.3 इंजिनां बी.एस.4 इंजिनांनी परिवर्तीत करपाचो निर्णय घेतला. हे निर्णय म्हणल्यार जिणेचो हक्क आनी पर्यावरण राखण हांचे खातीरचे आदर्श आसात. तांकां लागून कंपन्यांच्या फायद्या परस भौशीक भलायकी चड म्हत्वाची हाचेर भर दिला.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
l.	पर्यावरणाची राखण आनी जिणेचो हक्क हांचे खातीर प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक तांणी विरोध केलो.	विधान सारकें ना.
23. श्री. सेबेस्तियांव रोड्रिगीश, बिट्स पिलानी.		
a.	फाटलीं 125 वर्सां एम.पी.टी. गोंयची सेवा करता- हया विधानाक तांणी विरोध केलो. पुर्तुगेज तेंपार केल्ली सेवा गोंय राज्याची सेवा कशी जाता ?	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
b.	जे.एस.डब्ल्यू.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पांत गोंयच्या पर्यावरणाच्या कुस्ताचेर कर्नाटकाक कोळश्याची पुरवण जाता.	सद्याक अस्तित्वांत आशिल्ल्या पोर्ट तर्मिनलाचेंच आधुनिकीकरण म्हळ्यार हो प्रकल्प.
c.	गोंयच्या लोकांक हया प्रकल्पाचो कितें लाब आसा तें प.प्र.त. भितर कायच सांगूंक ना.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 4 अनुभाग 4.4, पान 4-17 मदीं आसपावला.

d.	तिनूय प्रकल्पां खातीर एकवटीत प.प्र.त. तयार करपाची गरज आसा. हाचें कारण पयलो प्रकल्प हेर दोन प्रकल्पां परस वेगळो ना.	प.प्र.त. अभ्यास प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण केलां. ही सुविधा अधिसुचीत बंदर क्षेत्रा भायर आसा, जंय साबार केंद्रांचेर भों.ह.गु. स्तरांची तपासणी करतात. तांतूतल्यान प.प्र.त. अभ्यासाखातीर एकवटीत प्रभाव कळटा. प.प्र.त. भितर उल्लेख केल्ल्या प्रमाण (पाठ 2 अनुभाग 2.2) सद्याच्या हाताळणी यंत्रणेची कुशळटाय वाडोवन तशेंच वाहक पट्टयाची गती आनी रेक परतुपाचो वेळ सुधारून क्षमताय वृद्धी वाडयतले. अशे तरेन वाडीव क्षमताय हो बरे आनी चड कुशळ हाताळणी पद्दतीनचो परिपाक आसतलो. एम.पी.टी.न प्रस्तावीत केल्ल्या ड्रेजिंग प्रकल्पाचेर हो प्रकल्प अवलंबून ना. पूण व्हडली जहाजां आयिल्ल्यान एस.डब्लू.पी.एल.क ताचो फायदोच जातलो.
e.	ई.सी. नासतना वा संबंदीत खात्यांची परवानगी नासतना एम.पी.टी.न ड्रेजिंग केलां.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
f.	सद्याच्या कोळसो हाताळणेक लागून जावपी प्रदुशण आळाबंदाक हाडूंक जे.एस.ड्ब्ल्यू.क अपेस आयला. देखून विस्ताराक मान्यताय दिवपाक जायना.	1. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
g.	कांय उद्देजकांच्या फायद्या खातीर वास्कोच्या लोकांचें जिवीत धोक्यांत घालपाक जायना.	विधान सारकें ना.
h.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिली जाल्यार गोंय कोळसो येरादारीचें कोरिडोर जातलें.	जाप दिवंक ना.
i.	प.प्र.त. अहवालांत भूगर्भी उदक विश्लेशणा विशीं कांयच सांगिल्ले ना.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.11, पान 3-10 भितर आयलां.
j.	10 कि.मी. त्रिज्या वाठारांतल्या कितल्याश्यांच बाधीत गांवांक प.प्र.त. अहवाला भितर कांयच सुवात दिल्ली ना.	7. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
k.	मांडवी आनी झुवारी न्हंयानीं मिनाची येरादारी करपी बार्जी दर्यांत मदींच धुतात, ताका लागून उदकाचें प्रदुशण जाता.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
l.	कोळसो आनी मीन हांची येरादारी करतना दर्यांत सांडपाणी सोडपाचेर प्रदुशण नियंत्रण मंडळान कारवाय करपाची मागणीं केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
m.	कोळश्यांच्या राशींचेर फवारणी करपाक जें उदक वापरतले ताचो स्रोत निश्चीत करपाक जाय.	5. ई क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

n.	चीन देशांत जशें कांय वाठारांनी फाटलीं कितलिशींच वर्सां सुर्या दिश्टी पडना तशीं गोंयचीं पर्यावरणी स्थिती जावपाक फावना.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
o.	प्रदुशण नियंत्रण उपायाक खातीर जें उदक कवापरतले तार्चें प्रमाण निश्चीत करपाक जाय.	5. ई क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
p.	प.प्र.त. अहवालांतल्या पर्यावरणी वेवस्थापण येवजणेंच्या संदर्भांत अस्तित्वांत नाशिल्ल्या गोवा मुनिसिपल कॉर्पोरेशनाक सांडपाणी हस्तांतरीत करपाचो संदर्भ तांणी दिलो.	ही एक नदर चुकीन जाल्ली चूक आसा. अंतीम प.प्र.त. भितर ती 'मुरगांव नगर पालिका' अशें सुधारतले.
q.	ऑयल गळटी आडावपा संबंदांत कसलेच उपाय सुचयल्ले नात.	सद्याक ऑयल कार्गोची हाताळणी जायना. क्षमताय वृद्धी भितर ती प्रस्तावीत लेगीत ना. एस.डब्लू.पी.एल.चो उदकांतल्या उपक्रमाकडेन संबंद ना. बंदराची देखभाल ही पोर्ट ट्रस्ताची जापसालकी. देखून ऑयल गळटी ही एस.डब्लू.पी.एल.ची जापसालकी जायना.
r.	आतां मेरेन उपस्थित केल्ल्या मुद्यांच्या आधारान प्रकल्पाक विरोध उक्तायलो.	जाप दिवंक ना.
24. श्रीमती डॉल्वीन ब्रागांझा, माजोड्डें.		
a.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून थळाव्या वाठाराची जैव विविधताय नश्ट जातली आनी कोल्या भशेन सामान्य प्राणी लेगीत दिश्टी पडचो ना.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 भितर आसपावला. हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना.
b.	तांणी हया प्रस्तावीत प्रकल्पाक आपलो खर विरोध उक्तायला.	जाप दिवंक ना.
25. ॲड. फा. मायकल फेर्नांडीस, वास्को.		
a.	बाधीत लोकांक प.प्र.त. अहवालाची प्रत धरून हेर सगळे दुकुमेंत दिवप हें प्रकल्प प्रस्तावकाचें कर्तव्य आशिल्लें.	7. क आनी 7. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	हे बाबतींतल्या अपेसाक लागून ही भौशीक सुनावणी रद्दबादल थारता.	7. क आनी 7. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	कोळसो हाताळणेक लागून वास्को शारांत खर हवा प्रदुशण जालां.	विधान सारकें ना आनी प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	कोळसो हाताळणेक लागून जावपी प्रदुशणा खातीर लोकांचे भलायकेचेर जावपी परिणाम तपासपा खातीर कसलेच यत्न केल्ले नात.	4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	राजकारणी लोकांच्या पुराय तेंक्या सयत नियोजन शुन्य उद्देगीक उपक्रमांक लागून कांय अर्थीक नदरेन सशक्त मनीस व्हडा प्रमाणाचेर प्रदुशण करतात.	विधान सारकें ना.

f.	लोकांचे हीत लक्षांत घेतिल्लें ना. दरेका प्रकल्पाचो वेगळो वेगळो न्हय तर तिन्यू प्रकल्पांचो एकवटीत परिणाम मतींत घेवंक जाय. वास्को शारांत कोळसो हाताळणेक लागून जावपी प्रदुशण उणें करपाक प्रदुशण नियंत्रण मंडळ कसली कारवाय करता ? प्रकल्प प्रस्तावकाक लागून थळाव्या लोकांचे भलायकेचेर जावपी परिणाम तपासपा खातीर कसलींच पावलां उबारिल्लीं नात वा ते विशीं अभ्यास केल्लो ना.	23. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची. विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	प्रकल्प प्रस्तावकाक लागून थळाव्या लोकांचे भलायकेचेर जावपी परिणाम तपासपा खातीर कसलींच पावलां उबारिल्लीं नात वा ते विशीं अभ्यास केल्लो ना.	4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
h.	प्रस्तावीत उपक्रमाक लागून समुद्री पर्यावरण आनी परिस्थितिकीचेर विपरीत परिणाम जातलो.	विधान सारकें ना.
i.	जे.एस.डब्ल्यू.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून वास्कोंतल्या इंडियन ऑयलीच्या टांकयांक धोको निर्माण जालां. ताचो अहवालांत उल्लेख केल्लो ना.	15. थ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
26. श्री. अभिजीत साळकार, वास्को.		
a.	तांणी प.प्र.त. अहवालाच्या पाठ 8 (8.4.2.) चो संदर्भ दिलो. प्रकल्प सुरू जातकीच बांदकाम सुवाते लागीं फकत तीन भों.ह.गु. तपासणेचीं केंद्रां प्रस्तावीत आसात. तीं उण्यांत उणीं बारा आसूंक जाय आनी बांदकामां वेळार तपासणी करूंक जाय, म्हूण तांणी विरोध केलो.	'बांदकाम' हें उतर चुकून आयलां. अतीम प.प्र.त. भितर तें 'कार्यान्वयन' अशें सुधारून घेतलें. कार्यान्वयन वाठारा लागी तीन केंद्रां वरवी तपासणी करतले. जाका लागून थंयचो प्रभाव निश्चीतपणान कळटलो. तरी लेगीत हे विशीं आमी गों.रा.प्र.नि.मं. चो आदेश मानतले.
b.	भो.ह.गु. ची तपासणी प्र.नि.मं.न करपाक तांणी विरोध केलो. ती तपासणी बि.स.सं. न करूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	प.प्र.त अहवालांत तरतूद केल्ले प्रमाण बारा लाखा परस चड निधी तपासणे खातीर उपलब्ध करूंक दिवंक जाय.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 8 अनुभाग 8.4.2, पान 8-14 भितर आयलां. अतिरिक्त तरतूद गरजे प्रमाण करतले.
d.	भो.ह.गु.ची केंद्रां खंय आसतली ते विशीं निश्चीत मार्गदर्शक सुचोवण्यो आसात. देखून तीन तपासणी केंद्रांक तांणी विरोध केलो.	26. क क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	जर भो.ह.गु.ची तपासणी चुकली जाल्यार प्र.प्र.चेर गुन्यांवकारी कारवाय जावंक जाय.	जाप दिवंक ना.
27. श्री. उद्धव पोळ, हेडलँड, सडा.		

a.	एम.पी.टी. सद्याक धुल्लमय कोळशो हाताळटात आनी देखून एम.पी.टी.क तुतीकुरी बंदराचेर मनाय केल्या आनी गोंय सोडून हेर खंयच्याच बंदराचेर तांकां मान्यताय ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
b.	एम.पी.टी. बंदरा वयल्या कोळश्याच्या राशींची उंची उणीं आसा जाल्यार कन्वेयर पट्ट्यांचीं गती वारो आडावपी वंटी परस चड आशिल्ल्यान त्यो निरुपेगी थारतात.	I डी. आनी I एफ दिल्ली जाप पळोवची.
c.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक खर विरोध केलो. आनी एम.पी.टी.च्या कोळसो हाताळणेचेर पुराय बंदी हाडपाची मागणी केली.	जाप दिवंक ना.
	28. श्री. रुइ कोश्ता आरावजो, चिखली.	
a.	कोळसो हाताळणी उपक्रमाक लागून साबार जलाशयांनी कोळसो उडयतात. हाका लागून विंडो-पॅन ऑयस्टर (कालवां) खातीर फामाद आशिल्ले चिखली खाडीचें प्रदुशण जाता.	1. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची. 15 ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची. ----
b.	प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या विस्ताराक लागून चिखली खाडीचें प्रदुशण जाता.	1. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची. 15 ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	प.रा.मं.च्या मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें उल्लंघन केल्ले खातीर आनी प.प्र.त. अधिसुचोवणेक पाळो दिवंक ना म्हूण हो प.प्र.त. अहवाल भायर मारचो पडटलो.	हो प.प्र.त. अभ्यास प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण केला.
d.	बॅन्थीक जिवावळी संबंदान चुकिची म्हायती अहवालांत आसा.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ तीन अनुभाग 3.17.8 पान क्र. 3-55 हातूंत आसपावला.
e.	चिखली खाडी परिस्थितिकी नदरेन संवेदनशील वाठार आसा. पूण ताचो प.प्र.त. अहवालांत उल्लेक करूंक ना.	ही एक सद्या चालू आशिल्ली सुविधा आसा. चिखली खाडीचे संवेदनशीलतायेचो अभ्यास केला, तो अंतीम प.प्र.त.न आसपावून घेतले.
f.	ग्रांद आयलँडा लागीं कोरल्स मेळटात ताचो उल्लेख अहवालांत ना. प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून कोळसो हाताळणी वाडिल्ल्यान पर्यावरणाचेर गंभीर परिणाम जातले, देखून प्रकल्पाक विरोध केलो.	ही नोंद सारकी ना. ग्रांड आयलँड हांगा पोवळीं मेळटात हाचो उल्लेख प.प्र.त. भितर केला. (पाठ 3 अनुभाग 3.17.10 पान क्र. 3.61) पूण ग्रांड आयलँड प्रस्तावीत प्रकल्पा कडल्यान उदका मार्गान सुमार 10 कि.मी.चेर पडटा. देखून ताचेर कसलोय प्रभाव जावपाक तो खूब पयस आसा.
g.	सद्याच्या प्रकल्पाक लागून जावपी हवा प्रदुशणाची मोलावणी करूंक प.प्र.त. अहवाल अपेशी थारला.	1. ए. क च्यो साबार उप-जापो आनी 1. घ क दिल्ल्यो जापो पळोवच्यो.
h.	प.प्र.त. अहवालाक आनी प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो. हो प.प्र.त. अहवाल रद्द करचो आनी तिनूय प्रकल्पांचो एकवटीत प.प्र.त. अहवाल तयार करून सादर करचो.	23. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

	29. श्री. संजय रेडकार, वास्को.	
a.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या ह्या प्रकल्पा विशींच्या फॉर्म । चो संदर्भ दिलो.	प.प्र.त प्रक्रियेच्या सुरवेच्या पांवड्यार प.रा.ह.ब. मंत्रालया कडल्यान सं.सं. मेळटकीच फॉर्म । सादर केला. प.प्र.त. भितर कसलीच सुधारीत/अद्यावत माहिती आसल्यार प्रकल्पाचे घटक आनी वळख बदली नासतना ती घालतले.
b.	प.प्र.त. अहवाल फॉर्म । च्या विसंगत आसा.	प.प्र.त प्रक्रियेच्या सुरवेच्या पांवड्यार प.रा.ह.ब. मंत्रालया कडल्यान सं.सं. मेळटकीच फॉर्म । सादर केला. प.प्र.त. भितर कसलीच सुधारीत/अद्यावत माहिती आसल्यार प्रकल्पाचे घटक आनी वळख बदली नासतना ती घालतले.
c.	फॉर्म । च्या अ.क्र. 10 भितर वास्को शार 4 कि.मी. आसा अशें म्हणला, प्रत्यक्षांत तें 3 कि.मी. आसा.	फॉर्म । भितर प्रकल्प सुवातेकडले दिल्ले अंतर अदमाशी आसा निश्चीत ना.
d.	ह्या प्रकल्पा कडेन ड्रेजिंगाचो संबंद आसा. पूण अ.क्र. 17 भितर ना अशें म्हणला.	एम.पी.टी. प्रस्तावीत केल्ल्या ड्रेजिंगाचेर हो प्रकल्प अवलंबून ना.
e.	अ.क्र. 11 भितर ड्रेजिंग करचे नात म्हणला. पूण प.प्र.त. भितर खोलाय 14 मि. वयल्यान 19.8 मि. वाडयतले अशें म्हणला. एम.पी.टी. 60% ड्रेजिंग केला अशेंय म्हणलां.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	कोळसो प्रदुशणाचो मनशाचेर जावपी परिणाम अभ्यासूंक ना.	1. ए. क दिल्ली जाप पळोवची, बिंदू 2 आनी 1. घ.
g.	अ.क्र. 3.2 भितर प्रस्तावीत प्रकल्पाचो मनशाचे जिविताचेर कांयच परिणाम जावचो ना अशें म्हणलां, ताका विरोध केला.	1. ए. क दिल्ली जाप पळोवची, बिंदू 2 आनी 1. घ.
h.	फॉर्म । भितर पर्यावरणी संवेदनशील वाठार आनी अधिक्षेत्रांचेर प्रकल्पाचो कांयच परिणाम जावचो ना (अ.क्र. 3.1) अशें म्हणलां, ताका विरोध केला.	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना. आधुनिकीकरणा भितर फकत परिणामकारक एकात्मीक आनी कुशळ ए.पी.सी.एम. बसयतले. पर्यावरण संवेदनशील वाठारांचेर खंयचोच चडावत विपरीत परिणाम जावचो ना.
i.	दुयेंत लोक, भुरगीं, जाण्टी आदी अशक्त लोकांचेर ह्या प्रकल्पाचो कांयच परिणाम जावचो ना. अशें म्हणलां (अ.क्र. 3.4) ताका विरोध केलो.	29. ज क दिल्ली जाप पळोवची
j.	वयले चडशे मुद्दे फटीचें आशिल्ल्यान प्रकल्प प्रस्तावकान बरोवन दिल्ल्या प्रमाण हो प.प्र.त. अहवाल भायर मारपाक जाय.	जुस्ताजुस्त आनी प्रकल्प-विशिश्ट व्याप्ती, प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो अतिरिक्त सं.सं., क्षेत्र-विशिश्ट प.प्र.त. मार्गदर्शक पुस्तिका आनी क्षेत्र-विशिश्ट सं.सं. हांचेर आदारून हो प.प्र.त. अहवाल तयार केला.

k.	फॉर्म । भितर चुकीची म्हायती दिल्ल्यान ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.	29. ज क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
l.	वास्को-द-गामा शारांत आनी ताचे भोंवतणी 1 लाखा परस चड लोक रावतात आनी हवा प्रदुशणाक लागून तांचे भलायकेचेर थेट परिणाम जाता.	1.क आनी 1. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
m.	वास्को नगर पालिकेंत 4 जानेवारी, 2016 दिसाचे एके खाशेले बसकेंत भलायकेच्या धोक्याक लागून वास्को शारांत कोळसो येरादारीकरपाक बंदी घातली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
n.	जांचे खातीर तीन भौशीक सुनावण्यो जातात ते तिनूय प्रकल्प एकामेकाक जोडिल्ले आसा. चॅनल खोल करप ही तिनूय प्रकल्पांची सामायीक गरज आसा. आनी सगळ्यांक चॅनलाची खोलाय 14 मी. वयल्यान 19.8 मी. मेरेन व्हरपाक जाय.	29. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
o.	कोळसो हाताळणी क्षमताय वाड करपाच्या प्रकल्पाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
p.	फॉर्म । च्या अ.क्र. 7 भितर संरक्षण आस्थापनांचो उल्लेख ना. प्रत्यक्षांत 15 कि.मी. त्रीज्या वाठारांत संरक्षण आस्थापनां आसात आनी सगळ्यांत लागी 1-2 कि.मी. भितर लेगीत आसा.	29. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
q.	फॉर्म । च्या अ.क्र. 8 भितर हॉस्पिटलां, शाळा, प्रार्थना घरां, समाजीक सुविधा ना अशें म्हणलां. पूण प्रत्यक्षांत 15 कि.मी. त्रिज्या वाठारांत आनी 200-300 मी. वाठारा भितर लेगीत तश्यो सुवातो आसात.	29. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
r.	5 तली 4 तपासणी केंद्रां प्रकल्प थळा पासून 50 - 100 मी.चेर आसात. पूण वारें व्हांवता त्या वास्को शारांत एक लेगीत केंद्र ना.	1. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
s.	प.प्र.त. अहवाल फॉर्म । भितरल्या विसंगतींक लागून भायर मारपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
t.	प.प्र.त अहवालांत लोक संख्येची दाटाय ना अशें म्हणलां.	हो प्रकल्प एक चालू आशिल्लोच प्रकल्प आसा. फकत आधुनिकीकरण आनी पोन्नी यंत्रां बदलप हांचो आधुनिकीकरणान आसपाव जातलो.
u.	पूण प्रत्यक्षांत प्रकल्प थळा भोंवतनी दाटायेन लोक संख्या आसा. देखून प्र.प्र.न फटीचें विधान केलां.	जाप दिवंक ना.
v.	तांणी प्रकल्पाक विरोध केलो.	जाव दिवंक ना.
	30. श्री. पीटर आंद्राद, वास्को :	

a.	प.प्र.त. अहवालांत गों.रा.प्र.नि. मंडळान केल्ले भों.ह.गु. तपासणेचे निश्कर्श आस्पाविल्ले नात. प.प्र.त. अहवालांत नमूद केल्ले भों.ह.गु. चे अहवाल दोशपूर्ण आसात आनी हवा प्रदुशाणाची परिणामकारकतायेन नोंद करपी केंद्राचेर ते घेतिल्ले नात.	1. ए. क दिल्ल्यो साबार जापो पळोवच्यो.
b.	प्रस्तावीत प्रकल्पा भोंवतणी/लागी नुस्तेंमारी चलना - हें कंपनीचें विधान चुकीचें आसा. खारीवाडो जेटी वयलीं नुस्तेमारी जहाजां आनी थंयचो वेवसाय हांचें प्रमाण अहवालांत आस्पाविल्लें ना.	नोंद सारकीं ना. हें बंदर आय.एस.पी.एस. पुर्तताय करपी आशिल्ल्यान चॅनला लागी सुरक्षेच्या करणाक लागून नुस्तेमारी बंदी आसा.
c.	प्रस्तावीत प्रकल्पा लागी कासयेचीं उपज-केंद्रां नात हया प.प्र.त. अहवालांतल्या विधानाक तांणी विरोध केलो. कासयो बायणा दर्यादेगेचेर तांतीं घालतात हाचे पुरावे आसात. चुकीचे तरेन अभ्यास केला.	नोंद सारकीं ना. क्वचीत तांतयां घालपाच्या घडणुकांक कासवाचीं प्रजनन सुवात अशें म्हणू येना.
d.	वास्कोंत आनी भोंवतणेच्या वाठारांनी कोळसो उद्देगाक लागून प्रदुशण आसा हें सत्य कोणूय न्हयकारूंक शकना.	1. ए. आनी 1. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	प्रकल्प प्रस्तावकान भेटयल्लो पुराय प.प्र.त. अहवाल रद्द करचो आनी पुराय कोळसो हाताळणी बंद करची.	जाप दिवंक ना.
	31. श्री. परशुराम शेट्ये, वास्को :	
a.	तीनूय प्रकल्प एकूच आसात, पूण तीन दीस भौशीक सुनावण्यो दवरल्यात. हें वास्कोच्या लोकांक छळूंकआनी त्रास दिवंक मुद्दाम केलां.	नोंद सारकी ना. हया प्रकल्पा खातीर प.रा.ह.ब.मं. कडल्यान स्वतंत्र सं.सं. मेळयल्यात. तशेंच 22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	वास्कोंतल्या लोकांचे भलायकेचेर कोळसो हाताळणेक लागून जावपी परिणामाचो अभ्यास वा सर्वेक्षण केल्लें ना.	1. ए. आनी 4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	वास्कोंतल्या कोळसो प्रदुशणा विशीं गों.रा.प्र.नि. मंडळा कडेन साबार कागाळी पावून लेगीत तांणी कारवाय करूंक ना वा करूंक कळाव केला आनी प्रदुशण चालू दवरलां. कोळसो हाताळणेंतले वाडी उपरांत प्रदुशण नियंत्रणांत दवरप प्रदुशण मंडळाक शक्य जावचेंना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	वास्कोंतल्या लोकांक कोळसो कंपन्या कडल्यान भेटी-भोंवाऱ्यो आनी दुडू नाकात, तांकां कोळसो कंपन्यो बंद पडिल्लो जाय.	जाप दिवंक ना.
e.	प्र.प्र.क परवानगी दिवपाक तांणी खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	32. श्री. आवेर्तान मिरांदा, पणजी :	

a.	प्रकल्पाक तेंको दिवपी एक लेगीत व्यक्ती भौशीक सुनावणेक ना. प्रत्येक जाण प्रकल्पाक खर विरोध करता.	जाप दिवंक ना.
b.	वास्कोंतल्या संरक्षण आस्थापनांक हया प्रकल्पाक लागून धोको निर्माण जातलो.	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना. आधुनिकीकरणा भितर फकत परिणामकारक एकात्मीक आनी कुशळ ए.पी.सी.एम. बसयतले. पर्यावरण संवेदनशील वाठारांचेर खंयचोच चडावत विपरीत परिणाम जावचो ना. प्रकल्पांत रस्तो येरादारीचो आसपाव ना.
c.	फुडल्या दोन भौशीक सुनावण्यांनी वांटो घेवपी लोकांक पिवपाच्या उदकाची पुरवण करपाची विनवणी केली.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
d.	प्र.प्र.क परवानगी दिवपाक तांणी कर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	33. सुरेश बर्वे, वाडें, वास्को :	
a.	लोकांनी विचारिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांक अध्यक्ष वा कंपनीचे प्रतिनिधी जापो दिनात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	लोकांनी विचारिल्ले सगळे प्रस्न आनी हरकतींची नोंद घेवन प्रकल्प प्रस्तावकाक मंजुरी दिवची काय ना, हें थारावपा खातीर ते प.रा. मंत्रालयाक धाडटले, अशी माहिती अध्यक्षांनी दिली.	-
c.	चिखली पंचायतीन ताका प.प्र.त. अहवाल आनी सारांश अहवलाची प्रत दिवंक ना, अशें सांगून चिखली पंचायतीच्या सचिवाचेर कारवाय करपाची मागणी ताणें केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	प.प्र.त. अहवालाची प्रत थळाव्या स्वराज्य संस्थांक थळावे भाशेंत, कोंकणी/मराठी दिवंक नाशिल्ली.	7. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	ग्रामपंचायतीचे सचिव श्री. नारायण आजगांवकार हांणी आपल्याक प.प्र.त. अहवालाचीं प्रत दिवपाक न्हयकार दिलो. सेक्रेटरीन ताचो छळ केलो. ताचेर कारवाय करपाची मागणी.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	34. श्री. परशुराम सोनुर्लेकार :	
a.	ध्वनी-प्रदुशण तपासणेची पद्दत प.प्र.त. अहवालांत दिवंक ना.	नोंद सारकीं ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.16, पान क्र. 3-26 भितर आसपावला. धव्नी प्रदुशणाचें स्तर वेटेड सावंड प्रेशर लेवल मिटर वापरून 7 केंद्रां वेल्यान मेजला.

b.	अदानी आनी जिंदाल हांचे उद्देग रातींचेच चलतात. हे उद्देग रातचे चलोवपाक तांकां सरकार वा प्रदुशण मंडळान कसली खाशेली परवानगी बी दिल्या ?	हें बंदर 24 वरां चलपी बंदर आसा.
c.	एन.जी.टी.न अदानी आनी जिंदालाक तांच्या प्रकल्पा भोंवतणी हरीत-पट्टो निर्माण करपाचो आदेश दिल्लो, तो तांणी आजून लेगीत पाळूंक ना.	हरिपट्टो विकासा संबंदान जिंदाल ग्रुपाचो वांटो आशिल्ली एस.डब्लू.पी.एल. कंपनी सकयल्यो गजाली दाखोवंक सोदता: 1. सुमार 1400 मी.^{2} सुवातेंत 700 झाडां प्रकल्प सुवाते भितर रोयल्यात. 2. हरिपट्ट्याची गरज पुराय प्रकल्प सुवाते खातीर सोदून काडल्या. ताची विभागणी करप जायते फावटी शक्य जायना. तरी लेगीत पुराय वाठार पांचवोचार करपा खातीर आनी धुल्लधुंवर स्राव आडावपा खातीर यत्न करतले.
d.	वृक्षलागवड केल्या काय म्हूण तांणी प्रस्न विचारलो.	34. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	सद्याच्या प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाक तांणी खर विरोध परगटायलो.	जाप दिवंक ना.
	35. अभिजीत प्रभूदेसाय, वास्को :	
a.	ओल्ड क्रॉस नुस्तेमारी समाजान दाखल केल्ले क्र. 10/2016 चे केशीचेर एन.जी.टीन दिल्ल्या निकालाचो संदर्भ दिलो.	जाप दिवंक ना.
b.	एन.जी.टी.न कार्गो हाताळपाचे प्रक्रिये बगर कॅपिटल ड्रेजींग करप शक्य जातलें वा ना हाची खात्री करपाक प.रा.मं.क निर्देश दिल्ल्याचें सांगलें.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना. एम.पी.टी.न प्रस्तावीत केल्ल्या ड्रेजिंग प्रकल्पाचेर हो प्रकल्प अवलंबून ना. त्या भायर 22 एफ.क दिल्ली जाप पळोवची.
c.	वयल्या गजालींची पुर्तताय केले बगर भौशीक सुनावणी घडोवन हाडप शक्य ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
d.	फॉर्म I प.रा.मं.चे वेबसायटीचेर तशेंच हेर खंयचेच माचयेर उपलब्ध करूंकनाशिल्ले.हें प.रा.मं.च्या मार्गदर्शक सिध्दांतांचें उल्लंघन अशें म्हणूं येता.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	तांच्या विधाना प्रमाण प्रकल्प प्रस्तावंक वा सल्लागारान प.प्र.त. अहवाल तयार करतना प.रा.मं.मार्गदर्शक पुस्तिका तयार करूंक ना.	वॅप्कोस ही भारत सरकाराचो उपक्रम आशिल्ली, एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा. ती प.रा.ह.ब. मंत्रालयान मान्यताय दिल्ली, साबार तरेच्या प्रकल्पांचो अणभव आशिल्ली कंपनी आसा. प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो सं.सं. आनी मानक नियमावली आनी मार्गदर्शिके प्रमाण प.प्र.त. भोवच बारीकसाणेन तयार केला.

f.	गरजेचें पुर्तताय विधान तयार करूंक ना आनी देखून इ.ए.सी. न संदर्भ संहिता दिवंक जाय नाशिल्ली.	सुधारी सं.सं. प्रमाण प.रा.ह.ब.मं. बेंगलोर प्रा.का. हांका प्रमाणांकीत पुर्तताय अहवाल मेळोवपा खातीर अर्ज केलां.
g.	रेल्वेचे धांवपट्टेचें दुपदरीकरण करपाच्या मुद्याचेर सुचयल्ले प्रमाण रान आनी वनजीव विभागांची मान्यताय घेवप गरजेचें आशिल्लें, पूण हाची नोंद फॉर्म । त मेळना.	प्रकल्प प्रस्तावकान रेल्वेच्या दुपेटीकरणाचो खंयचोय प्रस्ताव दवरिल्लो ना. सद्याच्या प्रस्तावीत पुर्तताय करपाक सद्या उपलब्ध आशिल्ल्या ट्रॅकांची उर्वरीत क्षमताय फावो तितली आसा देखून ही सुविधा ट्रॅकांच्या दुपेटीकरणा सावन स्वतंत्र आसा. देखून वन्यजीव आनी रान खात्याची परवानगी घेवपाची गरज ना.
h.	तांच्या विधाना प्रमाण, प्रकल्प प्रस्तावकान नकाशे आनी मजकूर प.प्र.त. अहवालांत दिवपाची गरज आशिल्ली, जे दिल्ले नात.	प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो सं.सं. आनी मानक नियमावली आनी मार्गदर्शिके प्रमाण प.प्र.त. भोवच बारीकसाणेन तयार केला.
i.	प.प्र.त. मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें स्पश्टपणान उल्लंघन केलां.	विधान सारकें ना.
j.	मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण अहवालांत अस्तित्वांत आशिल्लो पर्याय दिवपाक जाय आशिल्लो. बंदरांच्या रुपान पर्यायी साधनसुविधा पुर्वी दर्यादेगेर आसा. प.प्र.त. अहवाल ह्या मुद्यांचेर मौन आसा.	निरिक्षण सारकें ना. प्रकल्प प्रस्तावकान रेल्वेच्या दुपेटीकरणाचो खंयचोय प्रस्ताव दवरिल्लो ना. सद्याच्या प्रस्तावीत पुर्तताय करपाक सद्या उपलब्ध आशिल्ल्या ट्रॅकांची उर्वरीत क्षमताय फावो तितली आसा देखून ही सुविधा ट्रॅकांच्या दुपेटीकरणा सावन स्वतंत्र आसा.
k.	प.प्र.त.अहवालांत दोन दिसांच्या समुद्री जिवनशास्त्रा अभ्यास सोडल्यार मुळावे माहितीचें संकलन जावंक ना.	2004 सावन हो पोर्ट चालू आसा. ग्रीन फिल्ड प्रोजेक्टा खातीर पर्यायी सुवाती सोदच्यो पडटात.
l.	मार्गदर्शक पुस्तिकेंत जमनीची मुळाधार माहिती आनी लोकसंख्ये संबंदीची माहिती अहवालाचो भाग आसपाची गरज आशिल्ली. तरी लेगीत प.प्र.त.चो अहवाल ह्या विशयाचेर दुर्लक्ष करता.	निरिक्षण सारकें ना. प.प्र.त. अहवालान पाठ 3 भितर मुळावें सर्वेक्षण घडोवन हाडून अनुभाग 3.15, पान क्र. 3-17 हांतूत भों.ह.गु. सर्वेक्षण केलां. धव्नी प्रदुशणाची माहिती लेगीत एकठांय केल्या.
m.	आकृताय नकाशे आनी स्थलवर्णन माहिती अहवालांत आसप गरजेचें आसून लेगीत ती अहवालांत ना.	विधान सारकें ना. 20. ख क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
n.	प.प्र.त.च्या अहवालांत भूंयगर्भी तपशील दिल्ले ना.	हो प.प्र.त. अहवाल प्रकल्पा कडेन संबंदीत व्याप्तीचेर आदारून तयार केला. टर्मिनलाच्या रचनेंत कांयच बदल जावचो ना. देखून प.प्र.त. अभ्यासांत कंटूर नकाशें आनी भूंयथळी सर्वेक्षण हांचो आसपाव करूंक ना.
o.	उत्खनन केल्ले जमनीच्या धा मिटर पोंदच्या मातयेचे भूंयतंत्रीक गुणधर्म अभ्याशिल्ले नात.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून ह्या थळाच्या वा भोंवतणेच्या वाठाराचे भूगर्भी स्थितीचेर कांयच परिणाम जावचो ना. देखून प.प्र.त. भितर भूगर्भी तपशील दिवंक ना.
p.	सोद वाठारांतल्या उदकाच्या दर्जाचो विचार जावंक ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तवाका कडेन संबद्ध ना.

q.	मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण थरावीक खोलायेचेर उदकाचे नमुने काडपाचें काम प.प्र.त.अहवालांत करूंक ना.	विधान सारकें ना.
r.	प.प्र.त.अहवालांत जाल्लो क्षेत्र अभ्यास खंयचेच शास्त्रीय धर्तरेचेर जाल्लो ना.	विधान सारकें ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.2, पान क्र. 3-36 भितर दिलां. हांतूत समुद्री उदकाचें भूस्तरी आनी तळाकडले स्तर मांडलें.
s.	प्रस्तावीत प्रकल्पा भोंवतणेच्या वाठारांतल्यो वसाहती, शाळा, रुग्णांलयां आनी हेर आस्थापनांचो अभ्यास जावंक ना.	विधान सारकें ना.
t.	संबद्ध समाजीक आनी अर्थीकमाहिती प.प्र.त.अहवालांत आसपाविल्ली ना आनी उपलब्द आशिल्ली माहिती 2011 जनगणनेंतली आसा.	विधान सारकें ना. हो भाग पाठ 3 अनुभाग 3.18, पान क्र. 3-63 मदीं आसपावला.
u.	प्रस्तावीत प्रकल्पा भोंवतणेच्या वाठारांतल्यो वसाहती, शाळा, रुग्णांलयां आनी हेर आस्थापनांचो अभ्यास जावंक ना.	विधान सारकें ना.
v.	संबद्ध समाजीक आनी अर्थीक माहिती प.प्र.त. अहवालांत आसपाविल्ली ना आनी उपलब्द आशिल्ली माहिती 2011 जनगणनेंतली आसा.	20. ख क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
w.	प्रकल्पाचे लागीं आशिल्ले रस्ते आनी रेल्वे पट्ट्यांची नोंद घेतिल्ली ना	विधान अस्पश्ट
x.	हया प्रकल्पाक लागून दाबोळे विमानतळाच्या वेव्हाराचेर परिणाम जातलो	3. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
y.	हया प्रकल्पाचो नुस्तेकार आनी दर्यांतल्या पर्यावरणाचेर जावपी प्रभावाच्या परिणामांचें मुल्यांकन अहवालांत पळोवंक मेळना.	विधान सारकें ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 4 अनुभाग 4.3.2., पान क्र.4-12. आनी अनुभाग 4.4, पान क्र. 4-17 हांतूत आयलां.
z.	खर्च आनी फायद्याचें मुल्यांकन जावंक ना.	जर प.रा.ह.ब.मं. प.प्र.त. अधिसुचोवणी, 2006 (बदल) परिशिश्ट III, अनु.क्र. 9 प्रमाण अतिरिक्त सं.सं. जारी केलें जाल्यारूच खर्चाचो तपशील दिवपाचो आसता.
aa.	फॉर्म I चुकीची माहिती दिवन भरलां.	विधान सारकें ना.
bb.	हया प्रकल्पाचे सुवातेच्या धनीपणाचो मुद्दो उच्च न्यायालयांत आसा तरी आसताना फॉर्म I त कसलीच कायदेशीर समस्या ना, अशी नोंद केल्ली आसा.	ही जमीन एम.पी.टी. कडल्यान भाडेपट्टीचेर घेतिल्ली आसा. आमच्यो कसल्योच केसी चालू ना.
cc.	फॉर्म I त नोंद केल्ले प्रमाण भूंय उत्खननाची गरज ना, पूण एम.पी.टी.न उत्खनन पयलींच केलां.	जाप प्रकल्पाकडेन संबद्ध ना. हया प्रकल्पाचो भाग म्हूण ड्रेजिंग प्रस्तावीत ना.
dd.	तांच्या विधान प्रमाण कोळसो हाताळपाची तांक	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर

	वाडयतले जाल्यार आमकां सुधारीत आनी विस्तारीतसाधनांची गरज पडटली.	फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना.
ee.	कोळसो हाताळणेचो प्रभाव सरळ स्वासा संबंदीच्या दुर्यंसां कडेन जोडूं येता. पूण प्रकल्प प्रस्तावकान फॉर्म I त हो मुद्दो न्हयकारला.	1. ग, 4. क आनी 7. क क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ff.	प्रकल्प प्रस्तावकान ह्या प्रकल्पाचो मनश्यांच्या जिवन शैलीचेर कसलेच प्रकारचो प्रभाव पडचो ना अशें म्हणलां. पूण हें चुकीचें आसा. ह्या प्रकल्पाचो थेट प्रभावनुस्तेकार आनी वास्को शारांत रावपी लोकांचेर जातलो.	-
gg.	ओल्ड गोवा ही वारसो वास्तू ह्या प्रकल्पाच्या 15 कि.मी. क्षेत्रा मदीं आसा. प्रकल्प प्रस्तावकान हें लिपोवपाचो प्रयत्न केला.	29. ज क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
hh.	प्रकल्प प्रस्तूत करतल्यान हो प्रकल्प दाट लोक वस्तेंत आशिल्ल्याचें न्हयकारलां .ही एक स्पश्ट फट आसा, कारण हो प्रकल्प वास्को शारांत पडटा.	विधान सारकें ना. ही सुवात एम.पी.टी.च्या अधिसुचीत उद्देगीक वाठारांत पडटा, जी वास्को शारा कडल्यान पयस आसा.
ii.	प्रकल्प प्रस्तावकान सद्याचो प्रकल्प प्रदुशण करता हें न्हयकारला. ही फट आसा कारण प्र.नि.मंडळान म्हणलां ते प्रमाण जे.एस.डब्ल्यु.न हाताळिल्ल्या कोळश्याक लागून प्रदुशण जाता.	विधान सारकें ना. 1 घ. दिल्ली जाप आनी वयर भासाभास केल्ले साबार मुद्दे पळोवचे.
jj.	कोळसो हाताळणी आनी साधन सुविधा वाडोवपाचो निर्णय सामान्य मनशां कडल्यान लिपोवन दवरलां .हें संविधानांतले तरतुदीचें उल्लंघन थारता.	विधान सारकें ना.
kk.	प्रकल्प प्रस्तावकाचो पुर्व इतिहास बरो ना. पयले सुवातेर जे.एस.डब्ल्यु. चेर बेकायदेशीर कोळश्याच्या उपक्रमा खातीर कारवाय जाल्ली. दुसरे सुवातेर, जे.एस.डब्ल्यु आड खारफुटी कातरपा संबंदान गुन्यांवकारी खटलो दाखल जाला. तिसरे सुवातेर, 8 बँकांनी जे.एस.डब्ल्यू. चेर तांचे 7000 कोटी रुपया वसूल करपा खातीर कारवाय सुरू केल्या.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
ll.	ओ.एस.एच.ए.एस. न जे.एस.डब्ल्यु. क उल्लंघना खातीर 1 लाख डॉलर्सां वयर दंड दिला.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
mm.	जे.एस.डब्ल्यु. कडेन पुर्वी दर्या धडेर फावोशी साधन सामुग्री आसा, पश्चिमी दर्यादेगेर फकत सुवार्था खातीर ती सक्रीय आसा.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना. बर्थ 5(ए) आनी 6 (ए) चेर कोळश्याची येरादारी 2004 सावन एस.डब्लू.पी.एल. करता.

nn.	प.प्र.त. अहवाला प्रमाण धरिल्ल्या नुस्त्याचें प्रमाण व्हडा प्रमाणांत दैवूंक लागलां. हो प्रकल्प आयल्यार हें प्रमाण आनीक दैवतलें.	विधान सारकें ना. ही माहिती प.प्र.त.च्या पाठ 3, तकटो 3.42, पान 3-75 हांतूत दिल्या आनी ताचे प्रमाण 2011-15 ह्या काळांत समुद्री नुस्त्याचें उत्पादन वाडिल्ल्याचें स्पश्ट दिसता. (स्रोतः नुस्तेंमारी संचालनालय, गोंय सरकार)
oo.	रेल्वे रुळाचें दुपेटीकरण लोकांच्या आनी भौशीक हिताच्या आड आसा.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
pp.	प.प्र.त. अहवालांत भुगर्भीय माहितीचो आसपाव ना. सड्याची दोंगुरले वाटेनची धड कोंसळपाच्या मार्गार आसा.	हें विधान उखलापें आनी चुकीचें आसा. सड्याचेर कसलेंच बांदकाम अपेक्षीत ना.
qq.	आयचे भौशीक सुनावणेक आपणायल्ल्या प्रक्रियांक कायदेशीर मान्यताय ना.	जाप दिवंक ना.
rr.	प.प्र.त. अहवाल हवामान बदलाच्या प्रस्नाचेर कांय उलयना.	1. ए. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ss.	ह्या प्रकल्पा भाशेन हेर उपक्रम लागसार ना,हें प्रकल्प प्रस्तावकाचें विधान फट आसा. हाचें कारण ह्या प्रकल्पाक तेंकुनूच अदानीची कोळसो हाताळणी कंपनी आसा.	ही एक नदर चुकीन जाल्ली चूक आसा. अंतीम प.प्र.त. भितर ती 'मुरगांव नगर पालिका' अशें सुधारतले. तरी लेगीत थळाचेर एकठांय केल्ली माहिती सगळ्या प्रकल्पांचो एकवटीत परिणाम आसा. देखून मुळाधार माहिती कडेन तडजोड करूंक ना.
tt.	वॅपकोस ह्या सल्लागारान भौशीक सुनावणेच्या तिनूय प्रकल्पांचो अभ्यास केला,हे तिनूय प.प्र.त .एका सारकेच आसात.	वॅपकोस ही एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा आनी तिका साबार प्रकल्पांचो अणभव आसा.
uu.	कसलोच संदर्भ दिनासताना अहवालांत आधाराविणें विधानां केल्यांत आनी माहिती संकलनाची पद्धत चुकयल्या. प.रा. मंत्रालयान ह्या सल्लागाराक काळ्या यादींत घालचो अशी मागणी तांणी केली.	जाप दिवंक ना.
vv.	मुळाधार माहिती धोक्यांत आयिल्ल्या जल-जिणे विशीं कांयच उलयना.	विधान सारकें ना. ही माहिती प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.9, पान 3-61 मजगती दिल्या. (पोवळीं, कासयो, इयुगॉन्गस, सी वीड, खारफुटी आदी.)
ww.	प.प्र.त. अहवालां90प्रजातींचो उल्लेख केला. प्रत्यक्षांत मात हांगां 400 प्रजाती आसात.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.18.2 पान क्र. 3-66 मजगती दिला. (उभयचर, सरपटे, सुकणी, सस्तन मोनजाती आदी.)
xx.	नुस्तेमारीचेर आनी जुवारी न्हयेंतल्या प्रदूशणा विशीं एन.आय.ओ. चो अहवाल हे सारखेल्या दुय्यम माहितीचो विचार प्र.प्र.न करूंक ना.	प.रा.ह.ब.मं. जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास केला.
yy.	घ.क. 2.5 आनी घ.क. 10 हांच्यो नोंदी जायतश्यो	जाप दिवंक ना. मान्यताय प्राप्त यंत्रणां वरवी माहिती संकलन आनी

	बरयल्यात.	विश्लेशण केला.
zz.	प्रतिबंधात्मक तत्वां आनी चिरस्थायित्व हांचे विशीं हो अहवाल कांयच सांगिना. हाचे वयल्यान सल्लागाराचो पुर्वग्रह दिश्टी पडटा.	प.रा.ह.ब.मं. जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास केला.
aaa.	ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक ताणें खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	36. इनासियो डायस, नावेलीं :	
a.	प्रकल्प प्रस्तावकान एके गुन्यांवकारी यंत्रणे वरवीं हो प.प्र.त. तयार केला. हे यंत्रणेची चौकशी जावन तिका काळे वळेरेंत घालपाक जाय.	वॅपकोस ही एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा आनी तिका साबार प्रकल्पांचो अणभव आसा.
b.	प्र.प्र.न फॉर्म I वयले वयर भरला. आयची सुनावणी घेवचे पयली प्र.नि. मंडळान हो अहवाल नियाळूंक जाय आशिल्लो.	जाप दिवंक ना.
c.	प्रस्तावीत प्रकल्प रद्द करूंक जाय.	जाप दिवंक ना.
d.	अभिजीत प्रभुदेसाय हाका प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचेर नेमपाक जाय. प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे अधिकारी अकार्यक्षम आसात. बारीकसाणेन अभ्यास करून सत्य उक्ताडार हाडलें, हाजे खातीर ताणें अभिजीत प्रभूदेसायाची तुस्त केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	प्र.नि. मंडळान फकत आयचे सुनावणेचें इतिवृत्त प.रा. मंत्रालयाक धाडिनासताना ह्या प्रकल्पा विशीं आपलो शेरो लेगीत धाडपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	37. मॅगी सिल्वेरा, अध्यक्ष, भारत मुक्ती मोर्चा, गोवा युनीट :	
a.	प्र.प्र.आनी सरकारी अधिकारी हांणी गोंय काबार करूंक हात मेळोवणी केल्या.	जाप दिवंक ना.
b.	वास्कोच्या लोकांक त्रास दिवपा खातीर गों.रा.प्र.नि.मं. न तीन दीस सेगीत भौशीक सुनावणी दवरल्या.	जाप दिवंक ना.
c.	प्रस्तावीत उपक्रमाक हजारांनी करोड लिटर उदक वापरतले.	विधान सारकें ना.
d.	प्रस्तावीत प्रकल्पाचो गोंयकारांक कसलोच फायदो ना.	जाप दिवंक ना.
e.	हो प.प्र.त. अहवाल एक दोशपुर्ण दुकूमेत आसा.	वॅपकोस ही एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा आनी तिका साबार प्रकल्पांचो अणभव आसा.
f.	गो.रा.प्र.नि.मं. न आयचे सुनावणे पयलीं हो अहवाल तपासूंक जाय आशिल्लो.	जाप दिवंक ना.

g.	उदक एक गरज, फोल्ग न्हय. उदक ही आमकां सगळ्यांक मेळिल्ली एक देण. फकत उजो पालोवपाक जिंदालाक दिसाक सात लाख लीटर उदक लागतलें. म्हळ्यार वर्सांक 3,28,500,0000 इतलें लिटर उदक वर्सांक कंपनीक लागतलें.	एस.डब्लू.पी.एल. धुल्ल दमना खातीर खंयचेच पिवपाचे उदक वापरची ना. उदकाचो स्रोत 5 ई भितर सांगला.
h.	जेन्ना उदकाचे टँकर येतात तेन्ना एका कुटुंबाक 200 लिटर उदक लेगीत मेळना. तशेंच शाळेंतल्या भुरग्यांक नितळसाणे खातीर लेगीत उदक मेळना. पूण जिंदाल मात मनीसपण काबार करपा खातीर उदक वापरतलो.	एस.डब्लू.पी.एल. धुल्ल दमना खातीर खंयचेच पिवपाचे उदक वापरची ना. उदकाचो स्रोत 5 ई भितर सांगला.
	38. जुजे फिलीप डिसौजा, खारीवाडा वास्को :	
a.	पुलिसांनी भौशीक सुनावणेक आयिल्ल्या लोकांक उदक हाडपाक आडायले ते खातीर विरोध केलो.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
b.	वास्कोकारांक तेंको दिवपाक पुराय गोंयांतल्यान लोक आयिल्ले आसात. पूण वास्कोचो आमदार आनी वास्कोचो नगराध्यक्ष मात हाजीर रावूंक नात.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
c.	वास्को शार फाटल्या कितल्याश्याच वर्सां सांवन हवा प्रदुशण भोगता आनी आयज दर्या लेगीत प्रदुशीत जाला.	हवा प्रदुशणाचो मुखेल स्रोत म्हणल्यार हवेंत हुबपी धुल्ल जो प्रकल्प थळाचेर राबयल्ल्या प्रदुशण नियंत्रक उपायानी उणो करतले. तशेंच खूप उण्यां प्रमाणांत जाल्ले स्राव पयस मेरेन हुबून पावचेना. बंदर टर्मिनला वयल्यान दर्यांत सांडपाणी सोडचे नात.
d.	एम.पी.टी. येवच्या पयलीं थळावे नुस्तेकार वास्कोंत रावताले. पूण आयज एम.पी.टी वास्कोकारांचो छळ करता.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
e.	खारी वाड्या लागीचो दर्या, कोळसो हाताळणी प्रकल्पाक लागून पुराय रितीन प्रदुशीत जाला.	बल्क कार्गोचेर जावपी उदक फवारणी नियंत्रीत आसता आनी तें उदक कार्गोंत रिगता/मुरता. पोर्ट टर्मिनला वयल्यान कसलेंच सांडपाणी दर्यांत वचना. लिचेट आसलेंच जाल्यार तें एका सांठवण-फोंडांत एकठांय करतात, जंय गाळ तळाक बसता. तळाक बशिल्ले घनकण थरावीक अंतरान एकठांय करतात आनी तांचो सुरक्षीतपणान विलो लायतात.
f.	अदानीन हो प्रकल्प पुराय रितीन सुरू केलो जाल्यार वास्कोंतलें प्रदुशण 200टक्क्यांनी वाडटलें.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
g.	बर्थ 11 चेर आतां वुडन चिप्सांची हाताळणी जाता. हया चिप्सांक लागून थळाव्या नुस्तेकारांचे भलायकेचेर परिणाम जाता.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.

h.	फाल्यांची भौशीक सुनावणी ड्रेजिंगा खातीर जातली जाका लागून हया वाठारांत भूंयस्खलन जातलें.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
i.	सरकाराची जापसालदारकी लोकांची भलायकी पळोवपाची आसता, कंपन्यांचो फायदो न्हय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
j.	आनीक एक प्रस्ताव खारीवाड्याच्याफाटल्यान कार्गो हाताळणे खातीर भेटयला.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
k.	वास्को शारांत कोळसो हाताळणेक लागून सेगीत प्रदुशण जाता.	जाप दिवंक ना.
l.	वास्कोकार वास्कोंतली कोळसो हाताळणी पुराय रितीन थारले बगर कशेच वोगी बसचेनात.	जाप दिवंक ना.
m.	लोकांनी मांडिल्लीं सगळीं मतां नोंद करून तीं प.रा. मंत्रालयाक धाडून दिवपाची विनवणी तांणी केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
n.	वास्कोंतलें कोळसो प्रदुशण आडावपाक प्राधान्य दिवपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
o.	कोळश्याच्या धुल्लाक लागून वास्कोंत जायते अपघात लेगीत घडटात.	विधान सारकें ना.
p.	कोळसो प्रदुशण थांबयलें ना जाल्यार लोक एक व्हड आंदोलन उबे करतले.	जाप दिवंक ना.
q.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक तांणी खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	39. जॉन फेर्नांडीस, बाणावले :	
a.	गेटीचेर पुलीस उबे राविल्ल्या खातीर ताणी विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	पुलीस कंपनीची राखण करपाक आयल्यात. असो आरोप तांणी केलो.	जाप दिवंक ना.
c.	सुनावणेचे सुरवेक जें सादरीकरण केलें तें सल्लागारान केलां, हें सांगून आयज एम.पी.टी. चे अधिकारी कित्याक हाजीर नात, असो प्रस्न तांणी केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	तीन वेगवेगळ्यो भौशीक सुनावण्यो कित्याक जाय आशिल्ल्यो.	प.रा.ह.ब.मं. कडल्यान प्रस्तावीत प्रकल्पा खातीर स्वतंत्र सं.सं. मेळयल्यात. तशेंच 22 एफ.क दिल्ली जाप पळोवची.
e.	प.प्र. न लोकांच्या प्रस्नाक जापो दिवंक नात, हाचो तांणी विरोध केलो.	गों.रा.प्र.नि.मं.क लिखीत जाप दितले.
f.	भौशीक सुनावणेचे बसपाचे वेवस्थेचेर उलयतना एके वटेन लोक आनी दुसरे वटेन अधिकारी आनी	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

	प.प्र. चे प्रतिनिधी अशी वेगळी वेगळी वेवस्था केल्ले खातीर तांणी विरोध केलो.	
g.	नुस्तेकार संघटनेन एन.जी.टी. कडेन केस घातिल्ले खातीर तांणी तांची तुस्त केली.	जाप दिवंक ना.
h.	हया प्रकल्पाक लागून गरीब नुस्तेंकार आनी जल पर्यावरण दोनूय नश्ट जातले.	15. ट आनी 15. त क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
i.	दोशपुर्ण सादरीकरणाक लागून तांणी प.प्र.त. अहवालाक विरोध केलो. तशेंच वेपकोसाक लेगीत तांणी विरोध केलो.	36. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
j.	हया प.प्र.त अहवालांत चुकिची माहिती घातल्या, सामान्य मनीस, नुस्तेंकार हांचे जिणेचेर हया प्रकल्पाचो कितें परिणाम जातलो ते विशीं अहवालांत कांय सांगिल्लें ना.	विधान सारकें ना. 17. ग आनी 35. म क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
k.	हवा, उदक आनी माती हांचेर कसलोच परिणाम जावचो ना अशें विधान प.प्र.त. अहवालांत केलां, तें फट आसा.	विधान सारकें ना.
l.	स.स.ला. (सी.एस.आर.) करून पर्यावरणी प्रदुशणाची भरपाय जावची ना.	जाप दिवंक ना.
m.	कोळश्या सारक्या जिवाश्म इंधनाच्या वापराक लागून प्र.प्र. पर्यावरणाक बाधा हाडटलो.	जाप दिवंक ना.
n.	भूंयथळी परिस्थितिचेर कसलोच परिणाम जावचो ना अशें विधान अहवालांत केलां, ताचेकडेन तांणी असहमती दाखयली. तशेंच हया प्रकल्पांत ड्रेजींग आनी पुनर्वसन हांचो आसपाव ना, हें विधान लेगीत चुकीचें आसा. गोंयांतल्यान कोळसो कर्नाटकांत व्हरपाक एक खाशेलो रेल्वे ट्रॅक कंपनी खातीर बांदतात.	प्र.प्र.न आधुनिकीकरणाचो भाग म्हूण कसलेच ड्रेजिंग वा पुनर्वसन प्रस्तावीत करूंक ना. आधुनिकीकरण आनी क्षमताय वाड हांचो ड्रेजिंगा कडेन कांयच संबंद ना. आनी हो वावर फकत दर्यादेगेचेरूच चलतलो. एस.डब्लू.पी.एल.न रेल्वे दुपेटीकरणाची मागणी करूंक ना.
o.	राज्य सरकार हे कंपनीक तांकां जाय तशें करूंक मान्यताय दिता.	जाप दिवंक ना.
p.	हे भौशीक सुनावणेंत एकाय मनश्यान प्रकल्पाच्या फावरार उलोवप करूंक ना.	जाप दिवंक ना.
q.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक ताचो खर विरोध आसा आनी कोळसो हाताळणी थांबोवपाक बेगोबेग पावलां उबारचीं.	जाप दिवंक ना.
r.	गोंयां भायल्या उद्देगांनी वापरिल्लो कोळसो	जाप दिवंक ना.

	गोंयांतल्यान व्हरपाक जायना.	
s.	प्रकल्प प्रस्तावकान ह्या वाठाराचे भलायकेचो कसलोच अभ्याक करूंक ना.	प.रा.ह.ब.मं. जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास केला.
t.	कोळसो प्रदुशण थांबोवंक ना जाल्यार गोंयकार आंदोलन करतले.	जाप दिवंक ना.
u.	पुराय प्रस्तावीत प्रकल्पाक ताणी खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	40. सिरील ए. फेर्नांडीस, आल्त चिखली :	
a.	प.प्र.त अहवाल आनी कार्यकारी सारांश प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या 10 कि.मी. त्रिज्या वाठारांतल्या बारीक पंचायतींक दिवंक ना. ही भौशीक सुनावणी ताका लागून फुडें ना धुकलपाच्या अध्यक्षांच्या निर्णयाक तांणी विरोध केलो. हाका लागून त्या बाधीत गांवांक आपलीं मतां मांडपाच्या अधिकारा पासून वंचीत केल्यात, हें प.प्र.त. मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें उल्लंघन आसा.	7. ख आनी 7. ग दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	हाचे आदीं एक फावट प्रदुशण नियंत्रण मंडळान चुकिची तारीख थारायल्ल्या खातीर आनी दुसरे फावट सुनावणेची सुवात ल्हान आशिल्ली म्हणून दोन फावटी ही सुनावणी फुडे धुकल्ल्या.	जाप दिवंक ना.
c.	लोक सदांच सुनावणेंत वांटेकार जावपाक इत्सूक आसले.	जाप दिवंक ना.
d.	30दिसां भितर लोकांनी हरकत घेवंक ना हाजो अर्थ ते आयज हरकत घेवपाक अपात्र थरनात.	जाप दिवंक ना.
e.	बाधीत गांवांक प.प्र.त. अहवाल आनी सुचोवण्यो धाडपाच्या कामांत प्रदुशण नियंत्रण मंडळान आळसाय केल्या.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	मुळावो अभ्यास प्रकल्प सुवाते पासून 5 कि.मी. भितर जाल्यार दुय्यम अभ्यास 15 कि.मी. भितर करूंक जाय आशिल्लो.	1. ए. क आनी उप-जापो पळोवच्यो
g.	ह्या अहवालांत तसो अभ्यास करूंक ना. (भाग 1.6) आनी देखून हो अहवाल भायर मारपाक जाय.	साबार तरांच्या प्रकल्पांचे अणभव आशिल्ली वॅप्कोस ही एन.ए.बी.ई.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा. संदर्भ संहितांचे फासकेंत रावन प.प्र.त. अहवाल भोवच बारीकसाणेन तयार केला. जुस्ताजुस्त आनी प्रकल्प-विशिश्ट व्याप्ती, प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो अतिरिक्त सं.सं., क्षेत्र-विशिश्ट प.प्र.त. मार्गदर्शक पुस्तिका आनी क्षेत्र-विशिश्ट सं.सं. हांचेर आदारून हो प.प्र.त. अहवाल तयार केला.
h.	एम.पी.टी. करूंक सोदता त्या ड्रेजिंगांच्या वावराचो ह्या प्रकल्पा कडेन नाळी सारको संबंद	22 एफ.क दिल्ली जाप पळोवची.

	आसा.	
i.	प्रकल्प प्रस्तावक हाचे आदीच कोळसो हाताळणेच्या वेवसायांत गुंतला आनी देखूण तांणी 15 कि.मी.चो अभ्यास करूंक जाय आशिल्लो.	विधान सारकें ना.
j.	हया अहवालांत वाऱ्याच्या दिशे संबंदांत जायत्यो विसंगती आसात आनी वातचक्र दिल्लें ना.	विधान सारकें ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठा 3 अनुभाग 3.3, पान क्र. 3 चेर आयला. (वाऱ्याची गती आनी दिशा, आय.एम.डी. अहवाल 1981-2000)
k.	भौं.ह.गु.त. अहवाल चुकीचे पद्धतीन दिला आनी प.रा. मंत्रालयाच्या सुचोवण्यां प्रमाण तो एका वर्सा खातीर करिनासताना फकत तीन म्हयन्यां खातीर केला, देखून हया अभ्यासाचेर पातयेवपाक मेळना.	हो अभ्यास तीन म्हयन्यांच्या काळा खातीर केला. देखून रा.भौं.ह.गु. स्तरांचीं वर्सुकी सरासरी तुळा करूंक ना, जें परंपरेक धरून आसा.
l.	हया अहवालांत मुळावी माहिती चुकिची आसा. तातूंत बायणा दर्या देगेर तांतीं घालपी कासयेचो उल्लेख ना, तशेंच नुस्तेंकारांची लोकसंख्या चुकयल्या.	विधान सारकें ना. क्वचीत तांतयां घालपाच्या घडणुकांक कासवाचीं प्रजनन सुवात अशें म्हणू येना. त्या भायर पाठ 3 अनुभाग 3.19, पान क्र. 3-72 मजगती माहिती दिल्या. (नुस्तेमारी उत्पादन आनी अभ्यास वाठारांतले नुस्तेकार, स्रोतः नुस्तेमारी संचालनालय गोंय सरकार.)
m.	हया अहवालांतल्यान भायर दवरिल्ल्या साबार गांवांची वळेरी तांणी वाचून दाखयली आनी देखून त्या गांवांचेर जावपी प्रभाव अहवालांत दाखोवंक ना अशें म्हणलें.	20. ई आनी 20. च क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
n.	पाठ 4 परिच्छेद 2.2 भितर हया प्रकल्पांत ड्रेजिंग पुनर्वसन आनी दर्यांतलें बांदकाम आसचें ना अशें म्हणलां.	विधान सारकें ना. 22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
o.	हया विधानाक तांणी विरोध केलो आनी हया प्रकल्पाक ड्रेजिंग गरजेचें आसा अशें सांगलें.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
p.	प्रकल्प सुरू जाले उपरांत जेटी वयलो कोयर, जहाजांतलो कोयर, कारगोंतलो कोयर, कोळश्यांचें आनी स्टॅक यार्डांतलें सांडपाणी, घरगुती सांडपाणी आनी बर्था वयलें सांडपाणी हांचो विलो लायतले अशें म्हणलां, हें सगळें सांडपाणी एका सांठवण फोंडांत साठयतले, ताचेर प्रक्रिया करतले आनी जो स्लज तयार जाता तो गांवच्या लोकांक इंधन म्हूण वापरपाक दितले अशें म्हणलां (4.11). प्रकल्प प्रस्तावका कडेन फाटलीं 10 वर्सां अश्यो	विधान सारकें ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 4 अनुभाग 4.3 भितर दिला. तशेंच पाठ 4 अनुभाग 4.3 पान क्र. 4.11 हांतूत सांठवण टांकयांचो उल्लेख केला. आमच्या प्रकल्पांत स्लज केक वितरीत करिनात कितेंय जाल्यार प.प्र.त.ली माहिती शक्तीची आसना.

	सांडपाणी टांकयो आसात व्हय? तशेंच इतल्या वर्सा निर्माण जाल्लो स्लज तांणी खंयच्या गांवकारांक विकलो तांची वळेरी दिवची अशी मागणी तांणी प्र.नि.मं.क मंडळा कडेन केली.	
q.	प्र.नि. मंडळाच्या अधिकाऱ्यान ही माहिती लिखीत स्वरूपान फाल्यां दितले अशें सांगलें.	-
r.	कोळश्याच्यो राशी एके विशिश्ट उंचायेच्योच आसतल्यो. हीं सगळीं कैंद्रां धापून दवरतले? राशींची उंची कितली आसतली? अशे प्रस्न ताणी मंडळाक विचारले.	कोळश्याच्या राशींक दोन स्तरी संरक्षण आसता. तशेंच राशी दाळटना वा उसपीतना ताचेर उदकाची फवारणी करतात. त्या भायर राशींतल्यान धुल्ल हुबचो न्हय म्हूण फावो त्या आकाराच्यो वारो आडावपी धडो उबारतात.
s.	कोळसो हाताळणेक लागून हवा प्रदुशण जातलें अशें अहवालांत मान्य केलां.	विधान सारकें ना.
t.	हवा प्रदूशण आनी वातचक्र हांचो अभ्यास तीन म्हयन्यां खातीर न्हय तर एका वर्सा खातीर करचो पडटा.	गरजेचें नमुनांकण हो प.प्र.त. अभ्यासाचोच वांटो आशिल्लो. प.प्र.त.त दिल्ले वाट चक्र दिर्घकालीन माहितीचेर आदारीत आसा.
u.	अहवालांत प्रकल्पा लागीं नुस्तेंमारीचो कसलोच उपक्रम ना अशें म्हणलां.	विधान सारकें ना. बंदर क्षेत्रांत आनी चॅनला लागीं सुरक्षेच्या कारणा वयल्यान, हें बंदर आय.एस.पी.एस.ची पुर्तताय करपी आशिल्ल्यान हांगा नुस्तेमारीक बंदी आसा.
v.	प्रकल्पा लागीं वास्को फिशींग जेटी ना अशें चुकीचें विधान केलां.	विधान सारकें ना.
w.	ह्या विधाना खातीर प्रकल्प प्रस्तावकाचेर गुन्यांवकारी कारवाय जावपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
x.	आपल्याक प्रकल्प प्रस्तावकान केल्ले जलजिणेचेर आनी नुस्त्याचेर कसलोच परिणाम जावचो ना हें विधान मान्य ना.	15. ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची. नुस्तेमारी उत्पादन आनी जमनी वयली कार्गो हाताळणी हांचे मदीं कांयच संबंद ना.
y.	पान 5 ते 14 मजगतीं कोळश्यांच्या राशींचेर उदक फवारणी केल्ल्यान कसलोच रेबो / लिचेट निर्माण जावचो ना अशें म्हणलां. प्र. प्र. न फाटलीं 10वर्सां बर्थ 5एआनी 6ए चेर कोळश्याच्या राशींचेर मारपा खातीर कितलें उदक मारलां ताजो तपशील ताणी प्र.दू. मंडळाक विचारलो.	15. ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
z.	कोळश्याच्या राशींक लागपी उजो पालोवपा खातीर केन्ना केन्ना उदक लागतलें ह्या प्रस्तावकाच्या मताक तांणी विरोध केलो.	21. च र दिल्ली आमची जाप पळोवची.
aa.	अहवालांतल्या ह्या परिच्छेदा संबंदान ताणी प्र.नि.मंडळाक मत विचारलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

bb.	कोळश्यांच्यो राशी तडपत्रेन धापून दवरतात अशें विधान प्रकल्प प्रस्तावकान केलां, तें सद्दयाच्या प्रकल्पा खातीर काय मुखा वयल्या असो प्रस्न ताणी मंडळाक विचारलो.	40. द क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
cc.	कोळश्याच्या धुल्लांत जड धातूंचें संदुशण आसता जाचो वास्कोकारांचे भलायकेचेर आनी पर्यावरणाचेर परिणाम जातलो.	4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
dd.	अहवालांत प्रस्तावीत हरितपट्टया विशीं जें म्हणलां तें आदल्या अहवालांतल्यान कॉपी मारलां.	बंदर टर्मिनल क्षेत्र निश्चीत आशिल्ल्यान हरीतपट्टो हाचे आदींच विकसीत जाल्लो आसा. झोपां आनी उंच सावळी दिवपी झाडां (देखीक लॉंगीफोलिया) लायतले. हरीतपट्टो विकासा खातीरचें अदमास पत्र पाठ 5 अनुभाग 5.36, पान क्र. 5-23 मदीं दिला.
ee.	अहवालांत खंयच प्रकल्पा खातीरचो अदमासी खर्च दिल्लो ना.	विधान सारकें ना.
ff.	स.स.जा. खातीर कंपनी कितलो निधी दवरता? हया प्रस्नाक जाप दितना प्रकल्प प्रस्तावकाक एकूण नफ्याच्या 2 टक्के अशी जाप दिली. ताका विरोध करताना प्र.प्र.क पर्यावरणीय वेवस्थापनाचो खर्च स.स.जा खातीर दाखयल्ल्या बद्दल तांणी हरकत घेतली. तांणी सांगलें पर्यावरणाचे वेवस्थे खातीरचो निधी स.स.जा. तल्यानयेता.	एकूण नफ्याच्या 2% वांटो सी.एस.आर.चेर खर्च करप गरजेचें अशें प्र.प्र.न सांगलें.
gg.	कंपनी जर फायदो करिना जाल्यार ती स.स.जा. खातीर खंयचे पयशे हाडटली?	प.वे.ये.चेर जावपी खर्च सी.एस.आर.चेर जावपी खर्चा परस वेगळो. देखून फायदो जांव वा ना प्र.प्र. प.वे.ये. राबयतलोच.
hh.	स.स.जा. खातीर खर्च केल्ले रकमे विशीं पाठ 9 भितर जे आंकडे दाखयल्यात तांकां ताणी खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
ii.	आमी स.स.जा. कडेन पर्यावरण वेवस्थापन येवजण जोडिल्ली ना अशें प्र.प्र. न जाप दितना सांगलें.	प.वे.ये. आनी सी.एस.आर. अदमास पत्रकां स्वतंत्रपणान तयार केल्यांत.
jj.	प्र.नि. मंडळाक पर्यावरणाची राखण करूंक अपेस आयलां, देखून लोकांक व्हडा संखेन रस्त्यार येवचें पडटा.	जाप दिवंक ना.
kk.	तीन दीस, तीन वेगवेगळ्यो सुनावण्यो घेवपाच्या निर्णयाक ताणी विरोध केलो.	-
ll.	ताचेर जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी कोर्टाच्या निर्णयाक लागून तशें करचें पडलें अशें सांगलें.	-
mm.	संदर्भ सहिते भितर जायतें उल्लंघन दिश्टी पडटा, तें अशें-	-

	a. सं.सं. 3 प्रमाण लिचेटाचें प्रमाण थारायल्ले ना.	बल्क कार्गोचेर जावपी उदक फवारणी नियंत्रीत आसता आनी तें उदक कार्गोंत रिगता/मुरता. लिचेट आसलेंच जाल्यार तें एका सांठवण-फोंडांत एकठांय करतात, जंय गाळ तळाक बसता.
	b. सं.सं. 4 प्रमाण कार्गो हाताळणेचे तपशील आनी माहिती दिल्ली ना.	विधान सारकें ना. पाठ 5 अनुभाग 5.3, पान क्र. 5 पळोवचे. धापिल्ले शेडीची वेव्हारिक्ताय तपासप चालू आसा. ताचेर उभारणेंत जायती आव्हानां आसात. हो प्रस्ताव ई.ए.सी., प.रा.ह.ब.मं. हांकां प.प्र.त. सादरीकरणा वेळार भेटयतले आनी तांची परवानगी मेळटकच कारवाय करतले.
	c. सं.सं. 8 प्रमाण नुस्तेमारी उपक्रमाचे तपशील दिवंक नात. नुस्तेमारीचेर प्रभाव जावचो ना ह्या विधानाक विरोध केला.	हें बंदर आय.एस.पी.एस. पुर्तताय करपी आशिल्ल्यान चॅनला लागी सुरक्षेच्या करणाक लागून नुस्तेमारी बंदी आसा. पाठ 3 अनुभाग 3.19 (नुस्तेमारी) पळोवचो. नुस्तेमारीचो आनी सामुग्री हाताळणेचो कांयच संबंद ना.
	d. सं.सं. 10 भों.ह.गु. अभ्यास फकत तीन म्हयन्यां खातीर केला.	पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास केला.
	e. सं.सं.11 प्रमाण कोर्टांत केशी चल्ल्यात तांची माहिती सुनावणेंत दिवंक ना.	एन.जी.टी.ली केस ड्रेजिंगा संबंदांतली आसा. प्रस्तूत प्रकल्पांत ड्रेजिंग ना.
	f. सं.सं. 12 प्रमाण कोळश्याची हाताळणी वाडोवपा खातीर रेल्वे आनी रस्त्याचे जोडणेची गरज प्रकल्प प्रस्तावकान मान्य केल्या पूण वाडीव येरादारीचो पश्चीम घाटाचेर कितें परिणाम जातलो ताची माहिती अहवालांत दिल्ली ना.	प्रकल्पांत सद्या कार्गोची येरादारी रस्त्यवेयल्यान जायना आनी प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाच्या पांवड्यार लेगीत ती अपेक्षीत ना. सगळे वटेन दोरयेन सीलबंद करपा सयत, चल वॅगन लोडींग यंत्रणां वापरून लोडिंगाचो वावर सुरू जाले बराबर सगळ्या कार्गो व्हरपी रेल्वे दब्यांक धांपपाचो वावर पुराय जाता, जाका लागून कार्गोंतल्यान भायर धुल्ल हुबूंक पावना. हो एक शुन्य-अपवाद आनी शून्य-दोश उपक्रम जावन आसा, जो प्रकल्प प्रस्तावक भोवच कडकपणान राबयता.
nn.	कंपनीन प.रा. मंत्रालयाच्या नियमांचें उल्लंघन केलां. ज्या दिसा नमुने घेतल्यात, त्या दिसाची तारीख घातिल्ली ना. प्रस्तावकान फकत दोन दीस जलजिणेचो अभ्यास केला, तो असो करप शक्य ना.	विधान सारकें ना. पर्यावरणी मुळाधार माहिती तपासणीच्यो तारखो पाठ 3 अनुभाद 3.15, पान क्र. 3-17 मजगती सांगल्यात. पाठ 3न सांगिल्ले भशेन पर्यावरणी मुळाधार माहिती वयल्या पाठांतल्या पान क्र. 3-27 मदीं आयल्या. समुद्री नमुनें विंगड विंगड खोलायेच्या 7 वेग-वेगळ्या केंद्रांतल्यान दोन दीस एकठांय केले. नमुने एकठांय केलें आनी तांचे विश्लेशण केलें. हें करपाक जायते दीस लागले. ही गजाल प.रा.ह.ब.मं.चे मान्यताय प्राप्त पद्धती प्रमान आनी प.प्र.त. मानक स्तरा प्रमाण आसा.

oo.	हो प्रकल्प परिस्थितिकी संवेदनशील वाठाराच्या 5 कि.मी. अंतरा भितर पडना, ह्या प्रकल्प प्रस्तावकाच्या विधानाक विरोध केलो. ताणें सांगलें,चिखली खाडी ह्या प्रकल्पाच्या 5 कि.मी. त्रिज्या वाठारांत आसपावता आनी थंयच्या विंडोपॅन ऑयस्टर्स (कालवां) हीं वन्यजीव संरक्षण अधिनियमाच्या संरक्षीत प्रजातीं भितर पडटात, पूण हे गजालीचो उल्लेख अहवालांत करूंक ना, तशेंच प.रा. मंत्रालयाचे नदरेक हाडून दिवंक ना, देखून हो अहवाल भायर मारपाक जाय.	ग्रांड आयलँडाचेर पोवळीं मेळटात ही गजाल प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.10, पान क्र. 3.61 मजगती सांगलें. पूण ग्रांड आयलँड हांगाच्यान सुमार 10 कि.मी.चेर आसा देखून ह्या वाठाराचेर विपरीत परिणाम जावपाची शक्यताय ना. ही माहिती प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.9, पान 3-61 मजगती दिल्या. (पोवळीं, कासयो, ड्युगॉन्गस, सी वीड, खारफुटी आदी.)
pp.	अभ्यास वाठारांत कोरल्स (पोवळीं) मेळ्ळ्यांत. दोशपूर्ण फॉर्म-I भरिल्ल्यान ह्या आदाराचेर सं.सं. जारी केल्यात.	40. णण क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
qq.	अध्यक्ष, जे दक्षिण गोंय जिल्लो आपत्ती वेवस्थापन समितीचे सदस्य-सचीव आसात, तांकां ऑयल टांकयांक उजो लागल्यार आपत्ती वेवस्थापनाचे कसले उपाय आसात काय म्हूण प्रस्न विचारलो. प्रकल्प थळाचे शिमेचेर 28 पेट्रोलियम टांकयो आसात, तें प्र.प्र.न उक्तें करूंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
rr.	ताचेर अध्यक्षांनी थळाचेर आनी थळा भायल्या आपत्ती खातीरची वेवस्थापन येवजण आसा अशें सांगलें. आपत्ती वेवस्थापना खातीर थळाचेर आनी थळा भायर करपाची येवजण तयार आसा? अशें तांणी विचारले.	-
ss.	वास्को टायम बाँबाचेर बसलां आनी देखून आपत्ती वेवस्थापनाक प्राधान्य दिवपाक जाय. कोळश्याचे राशीं कडल्यान 10 मी. चेर प्रचंड अमोनिया टांकी आशिल्ल्यान ह्या वाठारांत उज्याचो धोको आसा.	एम.एस.आय.एच.सी. नियम 1989 प्रमाण कोळसो ही घातक सामुग्री न्हय. एस.डब्लू.पी.एल.चे अग्नीशमन यंत्रणेंत हायड्रंट यंत्रणा, फोम मोनिटर आसात जे कसलेय तरेचो उजो पालोवंक समर्थ आसात.
tt.	प.रा.मं.च्या बंदरां खातीरच्या नेमावळीचो संदर्भ दिवन, तिचे प्रमाण प्र.प्र.न संरक्षीत पारिस्थितिकी आनी संवेदनशील अशा 15 कि.मी.च्या भोंवतणीच्या वाठारांचे तपशील सादर करूंक जाय आशिल्ले.	वॅपकोस ही एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा आनी तिका साबार प्रकल्पांचो अणभव आसा. हो प.प्र.त. भोवच खोलायेन वचून प.रा.ह.ब.मं.न जारी केल्ले सं.सं. प्रमाण तशेंच मानक नेमावळी प्रमाण तयार केला.
uu.	15 कि.मी. अंतरा भितर ओल्ड गोवा चर्च, सलीम अली पक्षी अभयारण्य, रीश मागूश किल्लो, चिखली हांगाचे मॅगालिथीक केव्हस, सांकवाळची अवर लेडी ऑफ हॅल्थ चर्च आनी वेर्णेचे मॅगालिथिक्स हांचो आसपाव जाता.	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना. आधुनिकीकरणा भितर फकत परिणामकारक एकात्मीक आनी कुशळ ए.पी.सी.एम. बसयतले. पर्यावरण

		संवेदनशील वाठारांचेर खंयचोच चडावत विपरीत परिणाम जावचो ना.
vv.	परिस्थितिकी संवेदनशील वाठारांच्या संदर्भांत चिखली खाडी, मांडवी खाडी ह्या प्रकल्प सुवाते पसून 15 कि.मी. वाठारांत पडपी सुवातींचो उल्लेख तांणी केलो.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ww.	15 कि.मी. वाठारांतलीं संरक्षण आस्थापनां, गोवा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ, आयएनएस गोमन्तक, आयएनएस हंसा, बांबोळेचें एम.टी.आर. हांचोय उल्लेख कंपनीन करूंक ना.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
xx.	चड दाटायेच्या लोकसंख्येचो सडा वाठार बंदराच्या शिमेर आसा. तशेंच पणजी शार वास्को हें 10 कि.मी. भितर आसा.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
yy.	10 कि.मी त्रिज्या क्षेत्रांत सी.आय.एस.आर. प्रयोगशाळा, एन.आय.ओ. पडटा. प.प्र.त. अहवाल तयार करूंक एन.आय.ओ. कडेन कित्याक संपर्क सादूंक ना?	वॅप्कोस ही भारत सरकाराचो उपक्रम आशिल्ली, एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत बंदरा खातीर प.प्र.त. अभ्यास करपी सल्लागार कंपनी आसा.
zz.	10 कि.मी त्रिज्या क्षेत्रांत जिल्लो बंदखण, इंडियन मॅरिटायम इन्स्टिट्यूट, जैवीक वाठार पडटात, तांचो प्र.प्र.न उल्लेख करूंक ना. प्रकल्पाच्या लागींच व्हडा संख्येन शाळा आनी हॉस्पिटलां आसात.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
aaa.	त्या वाठारांतल्या व्हडा संख्येन आशिल्ल्या दर्यादेगांचीय वळेरी प्र.प्र.न दिवंक ना. प.प्र.त अहवालांत ती ना. हेडलॅंड सडा हांगा भूंयस्खलन जाता आशिल्ल्यान ती 'सैमीक आपत्ती प्रवण क्षेत्रांत' पडटा.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची. एस.डब्लू.पी.एल.चे प्रस्तावीत उपक्रमांक लागून भूंयस्खलन जावपाची शक्यताय ना.
bbb.	प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या सामके लागीं 28 पेट्रोलियम सांठवण टांकयो आनी 5000 टनांची अमोनिया टांकी आसा, जांचो उल्लेख प्र.प्र.न करूंक ना.	40. ss क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ccc.	हो प.प्र.त. दोशपूर्ण आशिल्ल्यान तो परतो करपाक जाय.	40. tt क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ddd.	ह्या प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाक खर विरोध.	जाप दिवंक ना.
eee.	प्रस्तावीत प्रकल्प मंजूर जाल्यार कोळसो प्रस्नाक लागून कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न निर्माण जातलो.	जाप दिवंक ना.
fff.	अदानी आनी जिंदाल 15 द.ट. कोळश्याची हाताळणी करता जाल्यार वेदान्त 5 द.ट. हाताळणेक सुरवात करतलो जाल्यार अदानीय बी विस्तार करतलो.	जाप दिवंक ना.

ggg.	क्रूज-बोटी (जलयात्रा जहाजां) आनी कोळसो प्रकल्प एकाच वांगडा आसूंक शकनात. एमपीटीन क्रूज बोटींचेर लक्ष दिवचें, कोळसो हाताळणेचेर न्हय. मुरगांव नगरपालिकेन शारांतली कोळसो हाताळणी बंद करपाचो थराव केला. हया विशयांत प्र.नि. मंडळान हस्तक्षेप करूंक जाय.	जाप दिवंक ना.
hhh.	तांणी अध्यक्षां कडेन पावर पॉयंट सादरीकरण करपाक दिवपाची विनवणी केली. प्र.प्र.क आपल्या उपक्रमा विशीं सादरीकरण करपाक दिल्या, तशीच परवानगी भागीदारांक लेगीत दिवची आनी लोकांक प्रकल्पा विशीं माहिती दिवपाची संद दिवची. हो प्रस्न मंडळान प.रा.मं. कडेन उपस्थीत करचो.	जाप दिवंक ना.
	41. ॲड. सुनिल लोरान, वास्को, वास्को एडवोकेटस् एसोसियेशनाचो पदाधिकारी :	
a.	वास्को शारांतलें कोळसो प्रदुशण भोवच वाडलां आनी तें नियंत्रीत करपाक कारवाय करूंक जाय.	विधान सारकें ना.
b.	थळाव्या नुस्तेमारां कडेन सल्लो मसलत करून समुद्री-परिस्थितिकी विशीं विस्तृत अभ्यास करूंक जाय.	हो भाग पाठ 3 अनुभाग 3.17 भितर आसपावला. (समुद्री परिस्थितिकी)
c.	मंडळान फाटल्या तीन म्हयन्यांच्यो तपासणेच्यो भों.ह.गु. नोंदी जाणा जावपाची इत्सा परगटाली.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
	डिसेंबरांत भों.ह.गु. स्तर चड आसात अशी माहिती मंडळाच्या पदाधिकाऱ्यांनी दिली.	-
d.	प्र.प्र.न ताचें स्पश्टीकरण दिवंक ना आनी तांकां लागपी व्हडा प्रमाणांतलें उदक ते खंयच्यान हाडटलें, तें सांगूंक ना.	5. e क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	वास्कोंतलें कोळसो प्रदुशण थारावपाक प्र.नि.मं.न बेगोबेग कारवाय करची.	जाप दिवंक ना.
f.	कोळसो भोवच ज्वलनशील आसा आनी उजो लागपाचो तो व्हड धोको जावन आसा.	विधान सारकें ना. राशिंतल्या कोळश्या भितर जेन्ना व्हडा प्रमाणांत सल्फर आसता आनी जेन्ना तो व्हड काळ सांठावन दवरतात, तेन्नाच ताका उजो लागूं येता. एस.डब्लू.पी.एल. टर्मिनलाचेर मुखलेपणान कोक आनी थर्मल कोलाची हाताळणी जाता, देखून ताका उजो तागपाची शक्यताय साप्प उणी आसा. तरी लेगीत, कोळसो टर्मिनलाचेर 10 दिसां परस चड तेंप उरना. ताका लागून पेट घेवपाची शक्यताय आनीकूय उणी जाता. देखून दक फवारणी उजो पात्रोवपा खातीर न्हय तर प्रदुशण उणावपा खातीर करतात.

g.	येरादारी अवस्थे विशीं अभ्यास करूंक ना. ट्रक सुमारा भायर भरप आनी एमपीटीच्या ट्रकांनी नियमांचें केल्लें सेगीतचें उल्लंघन तांणी नमूद केलें आनी अंतीम दस्तावेजांत ताचो आसपाव करपाची सुचोवणी केली.	प्रकल्पांत रस्त्या वयली येरादारी अपेक्षीत ना.
h.	पर्यटन आनी नुस्तेमारी आमचे अर्थ-वेवस्थेची बुन्याद आसा आनी तिचेर कोळसो प्रदुशणाचो परिणाम जाता.	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना. आधुनिकीकरणा भितर फकत परिणामकारक एकात्मीक आनी कुशळ ए.पी.सी.एम. बसयतले. पर्यावरण संवेदनशील वाठारांचेर खंयचोच चडावत विपरीत परिणाम जावचो ना.
i.	वॅप्कोसान कंपनी सोयिस्कर असो प.प्र.त. अहवाल तयार केला आनी हो भ्रश्टाचार गोंयचेर थापला.	वॅप्कोस ही भारत सरकाराचो उपक्रम आशिल्ली, एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा. ती प.रा.ह.ब. मंत्रालयान मान्यताय दिल्ली, साबार तरेच्या प्रकल्पांचो अणभव आशिल्ली कंपनी आसा. प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो सं.सं. आनी मानक नियमावली आनी मार्गदर्शिके प्रमाण प.प्र.त. भोवच बारीकसाणेन तयार केला.
j.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	42. शंकर पोलजी, मुरगांव :	
a.	भौशीक सुनावणेची बसका वेवस्था करतल्यांक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	एम.पी.टी. अधिकारी उपस्थीत ना, म्हूण विरोध केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	केंद्र सरकार गोंयचेर प्रकल्प थापूंक शकना, हें आपूण केंद्र सरकाराक सांगूंक सोदता.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	मुरगांव तालुक्यांतल्या लोकांचेर सगळ्यांत चड प्रभाव पडला.	विधान सारकें ना.
e.	वास्कोची सद्याची अवस्था सरकारी अधिकाऱ्यांचे आनी राजकारण्यांचे कोळसो हाताळणेक परवानगी दिवपाचे चुकीक लागून जाल्ली आसा.	जाप दिवंक ना.
f.	बेकायदेशीरपण नदरेक हाडून दिवन लेगीत भौशीक सुनावणी चालू दवरपाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
g.	प्रकल्प-प्रस्तावक, अधिकारी आनी सरकारी अधिकारी हांणी हातमेळवणी केल्या.	जाप दिवंक ना.
h.	प्रकल्प प्रस्तावक आनी सरकारी आधिकाऱ्यां कडल्यान कसलीच जाप भौसाक मेळूंक ना.	भौशीक सुनावणी सोपता तेन्ना भोवसाच्या प्रस्नांक जापो दितले अशें अध्यक्षांनी सांगलें.

i.	कोळश्यांच्या ट्रकांक लागून सड्यार व्हड येरादारी-धोको निर्माण जाला.	35. ञ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
j.	केंद्र सराकाराचे वृत्तीक लागून, एक दीस गोंयकार भारता कडल्यान स्वातंत्र्य मागतले.	जाप दिवंक ना.
k.	सरकार चोर आसा आनी मुरगांवच्या लोकांक न्याय मेळूंक ना.	जाप दिवंक ना.
l.	3 दीस सेगीत भौशीक सुनावणी घेतिल्ले खातीर विरोध परगटायलो.	जाप दिवंक ना.
m.	मुरगांवच्या आमदारान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन हातमेळवणी केल्या.	जाप दिवंक ना.
n.	प्रदुशीत कार्गो उपक्रमा कडेन सरकारान संबंद दवरूंक जायना.	जाप दिवंक ना.
o.	प्र.प्र.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक परवानगी मंजूर करून केंद्र सरकारान मुरगांवच्या लोकांक त्रास दिवपाक जायना.	जाप दिवंक ना.
p.	कोळसो प्रदुशणाक लागून वीर्य-प्रमाणांत घट जाल्या.	जाप दिवंक ना.
q.	बायणा आनी खारीवाड्या वयल्या लोकांक भायर काडिल्ले तेन्ना भौशीक सुनावणी कित्याक जावंक नाशिल्ली?	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
r.	प्रकल्पाक मान्यताय दिली जाल्यार जावपी वाडीव कोळसो हाताळणेक लागून जी रस्त्या वयली ट्रकांची येरादारी वाडटली, ती वास्को आनी सडो हांगाच्या रस्त्यांक पेलचीना.	35 j क दिल्ली जाप पळोवची.
s.	सरकारान वास्कोंतल्या लोकांचे प्रस्न समजुचे आनी लोकांक आंदोलन करूंक फोर्सार करचे न्हय.	जाप दिवंक ना.
t.	अमोनिया टांकयांचो धोको सरकारान विचारांत घेवचो.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
u.	सगळ्या लोकांनी प्रकल्पाक विरोध केल्लो आसून लेगीत, प्रकल्पाक मान्यताय मेळटली, हाची आपणाक जाणविकाय आसा.	जाप दिवंक ना.
v.	3 प्रकल्पांक मान्याताय दिली जाल्यार सेगीत आंदोलन जातलें.	जाप दिवंक ना.
w.	भौशीक सुनावणेक येवपी लोकांक सरकारान पैशे दिवचे.	जाप दिवंक ना.
x.	प्रस्तावीत तिनूय प्रकल्प गुठलावचे, अदानी आनी जिंदालाक वास्कोंतल्यान भायर काडचें आनी एम.पी.टी.न नितळ कार्गो हाताळचो.	जाप दिवंक ना.
y.	वास्कोंतल्या कोळसो समस्ये खातीर थळाव्या	जाप दिवंक ना.

	आमदाराक दोशी थारायलो.	
z.	सड्या वयल्या लोकांक दिसाक फकत 1 वर उदक दितात जाल्यार प्रकल्प प्रस्तावकाक 7 लाख लिटर उदक कित्याक, हाची जाप विचारली.	5. ई दिल्ली आमची जाप पळोवची.
	43. जयेश शेटगांवकार, सडो :	
a.	थळाव्या लोकांक वास्कोंत कोळसो हाताळणी नाका.	जाप दिवंक ना.
b.	हे तरेच्या कंपन्यांनी गोंयकारांक रोजगार ना.	हें विधान सारकें ना. एस.डब्लू.पी.एल. टर्मिनलांक वावूरपी सुमार 60% कर्मचारी गोंयचे आसात.
c.	वास्कोकारांक कोळसो म्हणल्यार ल्हवू-ल्हवू जाल्ली वीख बाधा. हे वीख-बाधे खातीर आपूण पुलीस स्टेशनांत कागाळ करतलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	प्रकल्प प्रस्तावकाचो पूर्व इतिहास तपासल्या उपरांत गों.रा.प्र.नि. मंडळान भौशीक सुनावणेक वचपाक नाका आशिल्लें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	ही सुनावणी म्हणल्यार वेळ, पेशे आनी कश्टांचो अपव्यय आसा.	जाप दिवंक ना.
f.	वास्कोंतलो कोयराचो प्रस्न हाताळूंक गों.रा.प्र.नि. मंडळाक येस आयिल्लें ना, जाल्यार तें कोळसो प्रदुशण कशें सोडोवंक पावतलें? असो प्रस्न विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	44. श्री. चंद्रशेखर वस्त :	
	वास्कोंत कोळसो हाताळणी प्रकल्प जावचो वा ना, हें थारावपा खातीर ओपिनिअन पोल घेवचो, हया अध्यक्षांच्या विधानाक तांणी विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	45. श्री. टेरेन्स जॉर्ज :	
	कोर्टाच्या निकाला प्रमाण एकाच दिसा तीन वेगवेगळ्यो सुनावण्यो घेवंक मेळनात, अशें स्पश्टीकरण दिले. एम.पी.टी. चोप्रस्तावीत ड्रेजिंग उपक्रम वेगळो काडून पळोवपाक मेळना अशें एन.जी.टी.च्या निकाला वयल्यान दिश्टी पडटा.	जाप दिवंक ना.
	46. जॅसिंतो सौज, खारीवाडा, वास्को :	
a.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावाक पुरायपणान विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	वास्कोंतल्या भुरग्यांचे भलायकेक एम.पी.टी. आनी कोळसो हाताळणी हांकां लागून धोको निर्माण जाला.	4. c क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

c.	1000 परंपरीक नुस्तेकारांचेर आनी नुस्तेमारीचेर परिणाम जाला.	विधान सारकें ना.
d.	वास्कोकार सगळें कोळसो प्रदुशण भोगतात.	विधान सारकें ना.
e.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या कोळसो हाताळणेच्या विस्ताराक मान्यताय दिवपाक कांयच रजांव ना.	जाप दिवंक ना.
f.	मंडळान केल्ले तपासणे विशीं स्पश्टीकरण मागलें आनी मंडळान कारवाय कित्याक करूंक ना? अशें विचारलें.	जाप दिवंक ना.
	मंडळाच्या अधिकाऱ्यान कंपनीचे प्रदुशण स्तर चड सांपडिल्ल्यान मंडळान कंपनीक उत्पादन 25% न उणें करपाचो आदेश दिल्ल्याचें सांगलें.	-
g.	प्र.प्र.क 5 द.ल. टनाचें उत्पादन 25% न उणे करपाचो आदेश दिल्लो आसतना विस्तारा खातीर भौशीक सुनावणी घेवपा फाटलें तर्कशास्त्र कसलें? असो प्रस्न केलो.	जाप दिवंक ना.
h.	एम.पी.टी.न आपले बर्थ थळाव्या लोकांक आनी न्हय भायल्या लोकांक भाडेपट्टेचेर दिवंक जाय.	जाप दिवंक ना.
i.	कोळसो म्हणल्यार एम.पी.टी.न आनी सरकारान वास्कोकारांक दिल्ले दुर्येस. हया प्रकल्पाक लागून कितल्या गोंयकारांक शिर्विसो मेळटल्यो?	आधुनिकीकरणाक लागून मनीसबळांत वाड जावची ना. पूण सद्याक सुमार 60% मनीसबळ थळावें आसा.
j.	गोंयकारांक जर तांतूतल्यान रोजगाराचे लाब ना जाल्यार, जे.एस.डब्ल्यू. च्या कोळसो हाताळणेक लागून वास्कोकारांचो छळ कित्याक जावंक दिवपाक जाय?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना. एस.डब्लू.पी.एल. टर्मिनलांक वावूरपी सुमार 60% कर्मचारी गोंयचे आसात.
k.	दर्या उदकाच्या प्रदुशणा विशीं मंडळान केल्ले कारवायेचे तपशील मागले.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
l.	कोळश्याक लागून नुस्त्याचें लेगीत संदुशण जालां आनी बारीक धुल्लाचेर नियंत्रण दवरपाक जायना.	
m.	कोळसो हाताळणेंतले ट्रक येरादारीक लागून वास्कोच्या रस्त्यांचेर येरादारीची कोंडी जाल्या. आपलो इश्ट अक्षय तारी हाका कोळसो व्हरपी ट्रकान धपको दिल्ल्यान जीव वगडावचो पडलो.	प्रकल्पाच्या सद्याच्या वा फुडारांतले येवजणेंत रस्त्या वयली येरादारी जावची ना.
n.	प्र.प्र.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवंक तांणी खर विरोध परगटायलो.	जाप दिवंक ना.
	47. सावियो कुरैय, मांगोर हील, वास्को :	

a.	आपणाक कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत करपाचो आसा. काल रातीं 11:30 वरांचेर कालची भौशीक सुनावणी आयज 10:30 वरांचेर चालू दवरपाचो निर्णय जाल्लो. पूण आयज चॅनलाचें खोलायकरण/ड्रेजिंग ह्या दुसऱ्या प्रकल्पा खातीर भौशीक सुनावणी सुचोवणे वरवीं निश्चीत जाल्या.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	देखून गों.रा.प्र.नि.मं.न आयजची सुनावणी स्थगीत करपी वा फुडें धुकलपी नोटीस काडूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	एम.पी.टी.चे आयजचे सुनावणेचेर भो. सर्वोच्च न्यायालयाची नदर आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	आयजची एम.पी.टी. प्रकल्पा विशींची सुनावणी भोवच महत्वाची आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	आयजची सुनावणेची वेळ वा तारीख स्थगीत केल्ली/फुडें धुकल्ली जाल्यार ते तरेची नोटीस काडप गरजेचें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	श्री. कुरैय हांणी उपस्थीत केल्ल्या कायदेशीर मुद्द्याक लागून कालची सुनावणी शनवार 29/04/2017 दिसा सकाळीं 10:30 वरांचेर फुडें चालू उरतली अशें जिल्ल्याधिकाऱ्यान सांगलें. कालची सुनावणी शनवार 29/04/2017 दिसा फुडें धुकलपाच्या अध्यक्षाच्या निर्णयाक श्री. कुरैय हांणी विरोध परगटायलो.	-
	48. श्री. सुरेश बर्वे:	
a.	काल रातीं कालची सुनावणी आयज घेवपाचो निर्णय जाल्ल्या कारणान अध्यक्षाक ती शनवारा मेरेन स्थगीत करपाक मेळना.	जाप दिवंक ना.
	ताचेर अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्यान सांगलें, काल थारिल्ली सुनावणी आयज चालू दवरपाचो निर्णय सर्वमतान आशिल्लो, पूण जर लोकांक ती चालू दवरिल्ली नाका जाल्यार आपणाक कांयच हरकत ना.	-
	49. श्री. सावियो कुरैय, मांगोर हील, वास्को :	
a.	कालची सुनावणी फुडें धुकल्ली अशें हांवें म्हणूंक ना, जाल्यार काल राती थारिल्ले भशेन ती आयज चालू दवरची अशें म्हणलां, अशें विधान परतें येवन केलें. त्याभायर कालचे भौशीक सुनावणेचें इतिवृत्त वाचून ताका मान्यताय घेवंक जाय आनी ती 4 दिसा उपरांत घेवपाक	जाप दिवंक ना.

	मेळना.	
	एम.पी.टी. प्रकल्पा खातीर आयज थारिल्ली भौशीक सुनावणी आपूण एका वरा खातीर फुडें धुकलतां. आतां आपूण काल उतर दिल्ले प्रमाण कालची सुनावणी चालू दवरतां आनी ती जातकीच उपरांत आयज अधिसूचीत जाल्ली सुनावणी चालू जातली, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
	50. ऍड. आयरीश रॉड्रिगीश :	
a.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रतिनिधींनी आपली वळख करून दिवपाची विनवणी केली. प्रतिनिधींनी आपली वळख अशे तरेन करून दिली:	श्री. आर. आर. पात्रा, उपाध्यक्ष, जे.एस.डब्ल्यू. इन्फ्रास्ट्रक्चर. श्री. ऍन्थनी फर्नांडीस, युनिट मुखेली, एस.डब्ल्यू.पी.एल.
b.	ही सुनावणी भोवच असंघटीत पद्धतीन घेतल्या.	जाप दिवंक ना.
c.	भौशीक सुनावणी जावपी तिनूय प्रकल्पां विशीं आपूण सामान्यपणान उलयतलों.	संबंदीत प्रस्नांक एस.जब्लू.पी.एल. जाप दितली.
	ह्या प्रकल्पाचो एम.पी.टी. वांटो आसा व्हय? अध्यक्षां कडल्यान स्पश्टीकरण मागलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	प्र.प्र. जे.एस.डब्ल्यू./एस.डब्ल्यू.पी.एल. आशिल्ल्यान एम.पी.टी. ह्या प्रकल्पाचो वांटो ना अशें अध्यक्षांनी सांगलें. ताचेर एम.पी.टी. ह्य प्रकल्पाचो नक्कीच वांटो आसा अशें तांणी सांगलें.	-
d.	एम.पी.टी. ह्या सुनावणेचो एक गरजेचो वांटो आसा.	जाप दिवंक ना.
e.	ही भौशीक सुनावणी एस.डब्ल्यू.पी.ची आसा, जे.एस.डब्ल्यू.ची न्हय. देखून एस.डब्ल्यू.पी.चे वतीन जे.एस.डब्ल्यू.चो प्रतिनिधी अधिकृती पत्र नासतना, खंयच्या आदाराचेर हाजीर आसा? असो प्रस्न विचारलो. अध्यक्षांनी जे.एस.डब्ल्यू.च्या प्रतिनिधीक भौशीक सुनावणी सोडपाचो आदेश दिवचो अशी मागणी तांणी केली.	जे.एस.डब्ल्यू.ची उपशाखा एस.डब्ल्यू.पी.एल. आसून लेगीत, जे.एस.डब्ल्यू.चो प्रतिनिधी आपूण जावन सकयल दिंवलो.
f.	गोंयकारांचो एम.पी.टी. वयलो विस्वास उडिल्ल्यान कालचे आनी आयचे सुनावणेक व्हडा संख्येन लोक आयला.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	आपल्या स्कुलांत के 7 वर्सांचे चलयेचेर बलात्काराचे घडणुकेचेर एम.पी.टी.न कांयच	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

	कारवाय करूंक ना.	
h.	सद्याच्या राज्य सरकारान आमी स. माथानी सालदाना हांची परंपरा फुडें चलयतले, अशें उतर दिल्लें पूण तांणी उतराक पाळो दिवंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	गोंय एक ल्हान राज्य आसा आनी नियोजना बगरच्या विकासाक लागून पर्यावरण आनी समाजीक स्थितीचें व्हडा प्रमाणाचेर नुकसान जायत आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
j.	राज्य सरकार गोंयाक काबार करपाक उठलां. गोंयकार नितळ हवा घेतात अशें दाखोवपाक ब्रिक्स परिशदे वेळार कोळसो येरादारी बंद दवरिल्ली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
k.	ब्रिक्स परिशदे वेळार कोळसो हाताळणी बंद कित्याक दवरिल्ली, असो प्रस्न एम.पी.टी.क विचारलो. नितळ हवा घेवपाचो हक्क फकत गरीब आनी शक्तीमान लोकांकच? असो प्रस्न केलो. हया नियोजनशून्य दूरदृश्टी नाशिल्ल्या विकासाक लागून गोंय काबार जातलें. एम.पी.टी.न गोंयचो विचार करचो, अशी विनवणी केली. अध्यक्षांनी लेगीत गोंयकारांक गृहीत धरचे न्हय, आपल्या पर्यावरणाचें नुकसान हाचे मुखार गोंयकार सोंसचे ना. अध्यक्ष नाशिल्ल्या गों.रा.प्र.नि. मंडळान अपक्षपाती आनी राजकारण्यांच्या इशाऱ्याचेर नाचनासतना वावरूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	51. एस. ए. कामत, चिखली :	
a.	कोलसो प्रदुशणाक लागून आपल्या घराचे जमनीर कोळश्याचो थर सांचला. एस.डब्ल्यू.पी.न 5 आनी 6 ए बर्थांचेर कोळसो हाताळणेंत विस्तार करपाचो थेट संबंद एम.पी.टी.न चॅनलाचें खोलायकरण करपां कडेन आसा. बर्थ 5 ए आनी 6 ए चेर जावपी प्रदुशण नियंत्रण दवरूं ना जाल्यार चॅनलाचें खोलायकरण म्हणल्यार पैशांची वाट लायिल्ले भशेन थारतलें. सद्या कंपनी म्होडटा त्या टना फाटल्यान रु.1/- च्या वांट्याक कंपनीक रु.8/- ते रु.10/- टना फाटल्यान कोळसो प्रदुशण आडावपा खातीर लागतले. गों.रा.प्र.नि. मंडळ आनी कोळसो कंपन्यांनी हातमेळवणी केल्या.	22 एफ.क दिल्ली जाप पळोवची.

b.	कंपनीन सी.एस.आर.चेर पैशे म्होडप बंद करचें आनी प्रदुशण नियंत्रणा खातीर पैश खर्च करून आमकां नितळ हवा घेवंक दिवचें.	एस.डब्लू.पी.एल. कडेन प्रदुशण नियंत्रणाचे सगळे उपाय सज्ज आसा आनी उपकरणां सुदारपाचो ते विचार करतात. सी.एस.आर.चो विचार स्वतंत्रपणान केला.
	52. कॅनडी आफोंसो, निमंत्रक, गोअन्स फॉर गोवा, केळशी :	
a.	गोंयाक कोळश्याची गरज आसा? गोंयकारांक रांदूंक वा गोंयच्या उद्देगाक कोळश्याची गरज आसा व्हय? ह्या प्रस्नाची जाप 'ना' अशी आशिल्ल्यान, बिगर गोंयकार कंपन्यांक फायदो करून दिवपाक गोंयचे मातयेचो वापर कित्याक करूंक दितात आनी दिवपाक जाय?	जाप दिवंक ना.
b.	मोपा विमानतळाची सुनावणी घेवपाच्या विशयांत गों.रा.प्र.नि. मंडळाक अपेस आयिल्ल्यान ते हो प.प्र.त. हाताळूंक शकचें ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
c.	अदानी आनी जिंदाल हांचीं बोल्सां भारपाक गोंयांत कोळसो हाडटात आनी परिणाम म्हणल्यार गोंयकार गोंयकारांक धुल्ल प्रदुशणाक लागून त्रास जाता.	जाप दिवंक ना.
d.	गोंयाक कोळश्याची गारज ना जाल्यार सद्याचे भौशीक सुनावणेची प्रक्रिया रद्द करपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
e.	सद्याक एम.पी.टी. म्हणल्यार मनी पोर्ट ट्रस्ट जाल्या, एम.पी.टी.ची कोळश्याची रास धांपण्या बगर आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	कोळश्याचेर फवारणी करपाक चड उदक वापरतले ह्या एम.पी.टी.च्या विधानाक विरोध केलो. कोळसो हाताळणी आनी प्रदुशणाक लागून कॅन्सर दुयेंस जालां आनी तें दुयेंस वाडत आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	बर्थ 5ए आनी 6ए चेर वाडीव कोळसो हाताळणी जाल्ल्यान पुराय गोंय राज्यांत प्रदुशण जातलें.	3. ग, 3. ज आनी 35. ञ क दिल्ल्यो आमच्यो जापो पळोवच्यो.
h.	2012 वर्सा जेन्ना फकत 5 द.ल.ट. उत्पादन आशिल्लें तेन्ना हायकोर्टान बर्थ क्र. 10 आनी 11 बंद ल्करपाचो आदेश दिल्लो. आतां सुमारा भायर उत्पादन आशिल्ल्यान प्रदुशण नियंत्रणा भायर वतलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	गोंयांतल्या गांवांतल्यान कोळसो कर्नाटकांत व्हरतात. सगळो कोळसो कर्नाटकांतल्या कंपन्यां खातीर आशिल्ल्यान त्या त्या कंपन्यांनी कर्नाटकांत बंदरां स्थापन करप गरजेचें.	हो प्रकल्प म्हळ्यार 2004 सावन चालू आशिल्ल्या सद्याच्या पोर्ट टर्मिनलाचे आधुनिकीकरण.
j.	एम.पी.टी.चें ड्रेजिंग फकत देखभाली खातीर - हें केंद्रीय मंत्री श्री. नितीन गडकरी हांचें विधान	जाप दिवंक ना. हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

	फटीचें आसा.	
k.	मोपा आंदोलना वेळार गौंयकारांक फटयल्ले पूण आतां मात ते फटोवन घेवचे नात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	53. श्री. एडवीन मास्कारेन्हस, चिखली :	
a.	माचयेर बशिल्ल्या लोकांनी आपापली वळख घडोवची, पदां सांगची. तांणी चर्चेंत कांयच वांटो घेवंक ना आनी भौसाच्या प्रस्नांक जापो दिवंक नात.	जाप दिवंक ना.
b.	हाचे आदल्या उलोवप्यान हाचे आदींच ती मागणी केल्ली आनी ती पुराय जाल्या. परतून परतून वळख घडयत रावल्यार ही सुनावणी केन्नाच सोंपची ना, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
c.	प.प्र.च्या प्रतिनिधीन भौशीक सुनावणेंत वांटो घेवंक जाय आनी लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवंक जाय प्र.प्र.चे वतीन अध्यक्ष वा मंडळान जापो दिवंक जायनात.	प्र.प्र.न लिखीत स्वरुपान जाप दिवपाचे मान्य केला.
d.	5ए आनी 6ए बर्थाच्या विकासाच्या मुळाधार अभ्यासांत गरज आशिल्ल्या उदकाचो तपशील दिवंक नात आनी फॉर्म-I भितर प्रदुशण आळाबंदा हाडपाक आनी नियंत्रीत करपाक 7 लाख लीटर उदक लागतलें अशें म्हणलां.	5. ई क दिल्ली आमची जाप पळोवची. ही माहिती पाठ 5 अनुभाग 5.3.2, पान क्र. 5-13 मजगती आयल्या (उदक पर्यावरण). पान 5-15 मजगती उदक संतुलन चित्र दाखयलां.
e.	लोडिंग/अनलोडिंगाचे प्रक्रियेंतले पांवडे सांगून कोळश्याचे गळटेक लागून धुल्ल तशेंच घनकण हवेंत पातळिल्ल्यान जावपी हवा प्रदुशणा विशीं सांगलें. देखीक बंदरांत एक दशलक्ष टन कोळसो येता, तांतूतलो 1% कोळसो हाताळणेंत गळटा, जाचें प्रमाण 10,000 द.ट. जाता, जातूंत मुरगांव तें बळ्ळारी जिल्ल्यांतल्या तोरंगळ्ळ मेरेनच्या रेल्वे येरादारी मजगतीं गळटी जाल्ल्या कोळशाचोय आसपाव जाता, तशेंच जहाजांत दसून उरिल्लो कोळसो-जो दर्यांत व्हांवन वता आनी प्रचंड प्रदुशण करता, ताचोय आसपाव जाता. हे विशीं कसलोच मुळाधार अभ्यास करूंक ना, जो प.प्र.त. अहवालांत आसपावप गरजेचें आशिल्लें.	विधान सारकें ना. कोळश्यांचें लोडिंग, अनलोडिंग आनी येरादारी यांत्रीक पद्दतीन केल्ल्यान हानी उणीं जातली. 1 एफ. आनी 3 सी.क दिल्ल्यो जापो पळोवच्यो ट्रेनी धांपिल्ल्यान गळटी आडावटली. येरादारींतली हानी उण्यांत उणीं आसतली हाचें कारण थेट वाहतूक जातली. जायते फावटी बाश्पी भवनाक लागून ओलसाण उणी जाल्ल्यान हानी जाता. 1 डी.क दिल्ली जाप पळोवची.
	54. श्री. दिनेश डायस :	

a.	तांणें प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावीत प.प्र.त. अहवालाचो फॉर्म-I आनी चॅनल खोलायकरणाच्या एम.पी.टी.च्या फॉर्म-I मदीं तुळा केली. पर्यावरणी संवेदनशीलताये विशींच्या भाग III कडेन ताणें प्र.प्र.चे लक्ष ओडलें. तांतूत प्रस्तावीत प्रकल्पाचे शिमे पसूनच्या 15 कि.मी. हवाई अंतराचो उल्लेख केला. तांतूत अनु.क्र.7 चेर प्रकल्पा लागी संरक्षण आस्थापनां नात, अशें म्हणला, तशेंच विमानतळ ना म्हणलां, जी एस.डब्ल्यू.पी.न मारिल्ली एक फटास आसा.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची. प्रकल्प कार्यान्वयनाक लागून प्रभाव जावपाचे नासले तरी अंतीम प.प्र.त. अहवालांत उल्लेख करतले.
b.	अनु.क्र.8 चेर प्रकल्पाच्या 15 कि.मी. त्रिज्या क्षेत्रांत दाटायेन लोकसंख्येचो वाठार ना अशें म्हणलां जाल्यार एम.पी.टी.च्या फॉर्म-I भितर कांय वाठारांचो उल्लेख केला.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	5ए आनी 6ए च्या फॉर्म-I भितर, अनु.क्र.9 चेर 15 कि.मी. अंतरा भोंवतणी शाळा वा धर्मीक इमारती ना, अशें म्हणला. पूण एम.पी.टी.च्या फॉर्म-I भितर कांय शाळा, हॉस्पिटलां आनी धर्मीक बांदकामां आसात अशें म्हणलां. हाचो अर्थ प्र.प्र.चो फॉर्म-I चुकीचो आसा, त्या भायर तांतूत ओल्ड गोवा चर्च हे जागतीक वारसो वास्तुंचोय उल्लेख ना.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
d.	कृशी, नुस्तेमारी, पर्यटन दीचीं संसाधनां आशिल्ले कसलेच वाछार ना अशें प्र.प्र.च्या फॉर्म-I भितर अनु.क्र. 10 भितर म्हणलां रूण एम.पी.टी. च्या फॉर्म-I भितर कांय पर्यटन थळां आसात. पूण अजापाची गजाल म्हणल्यार तांतूत चिखली खाडी आनी ग्रांड आयलँड, जंय अनुसूचीत प्रजाती सांपडल्यात तांचो उल्लेख ना.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	प्र.प्र. न भेटयल्ल्या फॉर्म-I च्या अनु.क्र. 11 भितर प्रकल्प थळाच्या 15 कि.मी. वाठारा भोंवतणी प्रदुशीत जावं येतात अशीं थळां ना, अशें म्हणला, जें चुकीचें विधान आसा. हाचें कारण बंदर आनी भोंवतणेचे वाठार फाटलीं कितलीशींच वर्सां प्रदुशणाचे अधीन आसात.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	प्र.प्र.न फॉर्म-I भितर दिल्ली माहिती फटीची आसा आनी ताणें दिल्ले स्विकृती पत्रा प्रमाण, मान्यताय/मंजुरी न्हयकारपाक जाय.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.

g.	राज्य सरकारान लादिल्लो ग्रीन सेस जे.एस.डब्ल्यू. आनी अदानीन कित्याक भरूंक ना? असो प्रस्न केलो.	ही बाब न्यायालयीन आसा.
	ताचेर मंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी हो प्रस्न न्यायालयांत आसा अशें सांगलें.	-
h.	प.प्र.त. अहवालांत कोळसो येरादारी करपी कार्गो धांपून व्हरतले अशें सांगलां. पूण रेल्वेच्या दुपेटीकरण प्रकल्पाचे तपासणे वेळार, कांसावली हांगा थळाव्या आमदाराक आनी रेल्वे आधिकाऱ्यांक धांपपाची रीत फावोशी नाशिल्ल्याचें लक्षांत आयलें. रेल्वेन हाचो दोश एम.पी.टी. आनी एस.डब्ल्यू.पी.क दिलो.	प्रकल्पांत सद्या कार्गोची येरादारी रस्त्यवेयल्यान जायना आनी प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाच्या पांवड्यार लेगीत ती अपेक्षीत ना. सगळे वटेन दोरयेन सीलबंद करपा सयत, चल वॅगन लोडींग यंत्रणां वापरून लोडिंगाचो वावर सुरू जाले बराबर सगळ्या कार्गो व्हरपी रेल्वे दब्यांक धांपपाचो वावर पुराय जाता, जाका लागून कार्गोतल्यान भायर धुल्ल हुबूंक पावना. हो एक शुन्य-अपवाद आनी शून्य-दोश उपक्रम जावन आसा, जो प्रकल्प प्रस्तावक भोवच कडकपणान राबयता.
i.	बंदरांत केपसायज जहाजां आयलीं जाल्यारूच बर्थ 5ए आनी 6ए चो विस्तार शक्य आसा. हे खातीर चॅनलाचें रुंदीकरण गरजेचें आसा. पूण फॉर्म-I भितर प्र.प्र.न चॅनल खोल वा रूंद करचे ना, अशें म्हणलां.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची. प्र.प्र.न चॅनलाचे सायडीन कसलेच तरेचें ड्रेजिंग वा खोलायकरण वा रुंदीकरण प्रस्तावीत करूंक ना.
j.	5ए आनी 6ए च्या विस्ताराचो एम.पी.टी.च्या चॅनल रुंदाय करणा कडेन संबंद आसा वा ना? अशें स्पश्टीकरण तांणी प्र.प्र. कडेन मागलें.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
k.	एम.पी.टी. च्या अहवालांत चिखली खाडीचे आनी ग्रांद आयलँडाचे परिस्थितिकी संवेदनशिलताये विशीं स्पश्टपणान उल्लेख आसा, जंय अनुसुचीत प्रजाती मेळटात. पूण प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या अहवालांत मात ना. अजापाचें म्हणल्यार दोगांयचो सल्लागार एकूच जावन आसा. एम.पी.टी.च्याअहवालांत आंतर-भरती प्रस्तर अधिक्षेत्रांचो - काब-द-राम, शिरदोन, दोनापावल खातीरचो उल्लेख आसा, पूण प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या अहवालांत मात ना.	ग्रांड आयलँडाचेर पोवळीं मेळटात ही गजाल प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.10, पान क्र. 3.61 मजगती सांगलें. पूण ग्रांड आयलँड हांगाच्यान सुमार 10 कि.मी.चेर आसा देखून हया वाठाराचेर विपरीत परिणाम जावपाची शक्यताय ना. ही माहिती प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.9, पान 3-61 मजगती दिल्या (पोवळीं, कासयो, ड्युगॉन्गस, सी वीड, खारफुटी आदी).
l.	भौशीक माळा वयलें आस्थापन आशिल्ल्या वॅप्कोसान, सरकारा खातीरच्या प.प्र.त. अहवालांतली माहिती आनी प्रस्तूत प्रकल्पा (5ए आनी 6ए) खातीरच्या अहवालांतली माहिती हांचे भितर कशी तफावत आसा, हाचें स्पश्टीकरण दिवंक जाय.	हवा आनी उदक पर्यावरणाचेर प्राथमीक माहिती सल्लागारान त्याच वेळार एकठांय केल्ली आनी प्रभाव तपासणे खातीर पर्यावरणीय घटकांचें विश्लेशण करता आसतना गरज तत्वाचेर सादर केल्ली.
	55. श्री. रुपेश शिंक्रे :	

a.	एम.पी.टी.न चॅनलाचें रुंदीकरण केलें जाल्यारूय व्हड जहाजांक प्रवेश दिवप शक्य जातलें, अशें प्र.प्र.न प.प्र.त. अहवालाच्या अनु.क्र. 22 चेर म्हणलां, अशें सांगलें. हाचे वयल्यान, प्रस्तूत प्रकल्पाचो एम.पी.टी.च्या चॅनल खोलायकरण आनी रुंदीकरणा कडेन कांयच संबंद ना हे विधान धादांत फट आशिल्ल्याचें सिद्ध जाता. प्रकल्प प्रस्तावकान प.प्र.त. भितर आपणें जें कितें सांगलां तेंच खरें आसा - म्हणल्यार तांच्या 5ए आनी 6ए विस्ताराचो चॅनल रुंदायकरण वा खोलायकरणा कडेन कांयच संबंद नाशिल्ल्याची जाप दिली.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची. प.प्र.त. भितर उल्लेख केल्ल्या प्रमाण (पाठ 2 अनुभाग 2.2) सद्याच्या हाताळणी यंत्रणेची कुशळटाय वाडोवन तशेंच वाहक पट्ट्याची गती आनी रेक परतुपाचो वेळ सुधारून क्षमताय वृद्धी वाडयतले. अशे तरेन वाडीव क्षमताय हो बरे आनी चड कुशळ हाताळणी पद्धतींचो परिपाक आसतलो.
	56. श्री. सुदीप दळवी, म्हापशें :	
a.	अध्यक्ष आनी पॅनलान हाचे आदींच ह्या प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाचें थारायलां.	जाप दिवंक ना.
b.	गोंयकार ऑफिसरांनी कंपनीक तेंको दिवंक फावना.	जाप दिवंक ना.
c.	कोळसो हाताळणी आनी येरादारी वाडली जाल्यार वास्कोकारांची जीण काबार जातली.	प्रकल्पांत सद्या कार्गोची येरादारी रस्त्यवेयल्यान जायना आनी प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाच्या पांवड्यार लेगीत ती अपेक्षीत ना. 1डी, 4सी, 7सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
d.	फुडल्यो पिळग्यो कर्करोगाच्या दुयेंसांनी आनी हवा प्रदुशणाक लागून जावपी दुयेंसांनी त्रासांत पडटल्यो.	जहाजांतल्यान ओतिल्ली सामुग्री एकठांवपी हॉपर, जंक्शन-टॉवर आनी संवाहक वेवस्थांनी 'अक्वा डायन' उजक फवारणी यंत्रणा टर्मिनलाचेर बसयतले. फॉगिंग तंत्रज्ञानाचेर ही यंत्रणा चलत आशिल्ल्यान, सामको बारीक हवेंतलो धुल्ल लेगीत परिणामकारकतायेन आडावप ह्या पूर्वनियोजीत आकार आनी स्वरुपाच्या उदका थेंब्यांक लागून शक्य जातलें. ढिगाऱ्यांच्या यार्डांनी माल धांपिल्लो आसतलो आनी फकत राशी दाळपा वेळार आनी पुनर्वसना वेळारच तो उक्तो करतले, त्या वेळार ताचेर उदक फवारणी करतले आनी हे ओलसाणेक लागून स्राव पुराय रितीन मर्यादीत उरतले.
e.	फुडारांतल्या पर्यावरणी प्रस्नां खातीर सरकारी अधिकारी जापसाल थारतले.	जाप दिवंक ना.
f.	गोंयकार अधिकाऱ्यांच्या ह्या विचित्र वृत्तीक लागून जावपी गोंयचो वाडटो नाश थारावपाक पुराय गोंयभर आंदोलन जातलें.	जाप दिवंक ना.
	57. श्री. सुरेश बर्वे :	
	श्री. बर्वे हे हाचे आदींच (काल) उलयल्यात देखून तांकां परतून उलोवपाक मेळचें ना, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-

	58. लुमिया आल्मेदा, सुरावली :	
a.	कोळसो वाहतूक करपी येरादारीक लागून सुरावली गांवांतल्या लोकांक स्वसनाचीं दुयेंसां जाल्यांत. जायत्या थळाव्या लोकांक अस्थमा जाल्ल्यान उपचार करचे पडटात.	प्रकल्पाचे सुरवेक सावन रेल्वे येरादारी चलता. सगळे वटेन दोरयेन सीलबंद करपा सयत, चल वॅगन लोडींग यंत्रणां वापरून लोडिंगाचो वावर सुरू जाले बराबर सगळ्या कार्गो व्हरपी रेल्वे दब्यांक धांपपाचो वावर पुराय जाता, जाका लागून कार्गोतल्यान भायर धुल्ल हुबूंक पावना. हो एक शुन्य-अपवाद आनी शून्य-दोश उपक्रम जावन आसा, जो प्रकल्प प्रस्तावक भोवच कडकपणान राबयता.
b.	कोळसो हाताळणी आनी येरादारींत वाड जाल्ले कारणान गांवचीं गांवां नश्ट जातलीं.	58. ए. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	राज्य सरकार गोंयाक **काबार** करूंक उठलां.	जाप दिवंक ना.
	59. श्री. संकल्प आणोणकार, बायणा, वास्को :	
a.	आपूण प्रकल्पाचो निशेध करून आपलें मत मांडटां.	जाप दिवंक ना.
b.	कालच्यान ही भौशीक सुनावणी चालू आसा आनी सुनावणेचें पूर्वनियोजीत नाटक केल्ले भशेन दिसता.	जाप दिवंक ना.
c.	प्र.प्र.त. चें सादरीकरण केलां तांतूत फकत आत्मस्तुतीच दिश्टी पडटा.	जाप दिवंक ना.
d.	काल एके व्यक्तीन एम.पी.टी. आपल्यो कोळश्यांच्यो राशी उक्त्योच दवरता अशें सांगलां, ताचे वेल्यान हें सादरीकरण फट आसा, हें सिद्ध जाता.	4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	वास्कोंत उदकाचो खर उणाव आसा आनी प्र.प्र. मात फकत धुल्ल दमना खातीर 7 लाख लीटर उदक वापरता. ताका लागून उदका खातीर वळवळे काडपी लोकांक पिवपाचें उदक लेगीत मेळना. देखून तें बंद करूंक जाय. गोंयांत हाडिल्लो कोळसो कर्नाटकांत धाडटात, देखून गोंयाक ताचो कांयच उपेग ना.	5. ई. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	कर्नाटकान आपली स्वताची साधनसुविधा विकसीत करपाक जाय.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
g.	आपली चली धरून हेर कांय भुरग्यांक कोळसो प्रदुशणाक लागून स्वसनाचें दुयेंस जालां.	1. ए. आनी 4. सी. क दिल्ल्यो आमच्यो जापो पळोवच्यो.
h.	वास्कोकारांक गोंयांत कोळसो हाताळणी नाका.	जाप दिवंक ना.
i.	प्र.प्र.न केल्ली स.स.ला. (सी.एस.आर) कांयच उपेगाची ना.	जाप दिवंक ना.

j.	प्र.प्र. कडल्यान वास्कोकारांनी सी.एस.आर.ची मागणी करूंक ना. सी.एस.आर. खाला कंपनीन 'हर्स व्हॅन' दिल्या, हाचो अर्थचप्रदुशण पोटांत गेल्ल्यान लोक मरतले, देखून त्यो दिल्यात असो जाता.	विधान सारकें ना. एस.डब्लू.पी.एल.न सी.एस.आर. उपक्रमा खातीर बजत तयार केला आनी नफ्यांतलो 2% वांटो ते सी.एस.आर.चेर खर्च करतात. तांतूत शाळां खातीर साधन सुविधा, अभ्यास-साहित्य, बागांचें सोबितीकरण, कोयरा पेटयो वाटप आनी स्वच्छ भारत अभियाना खाला टॉयलेटी बांदप हांचो आसपाव जाता. एस.डब्लू.पी.एल.न खंयचीच हर्स व्हॅन दान दिवंक ना.
k.	प्र.प्र.न ही भौशीक सुनावणी मुखार व्हरूंक जायना. प्र.प्र.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक तशेंच गोंयांतले कोळसो हाताळणेक आपूण पुराय रितीन विरोध करतां.	जाप दिवंक ना.
	60. डॉ. जोर्सन फर्नांडीस, लोटली :	
a.	कोळश्याच्या धुल्लांक खंयचीच सुरक्षीतताय ना. कोळश्याच्या धुल्लांत पारो, भीड, निकेल, क्रोमियम, रेडिओ आयजोटोप्स आनी हेर जड तशेंच विखारी धातू सांपडटात जे धुल्ला वांगडा पातळटात.	विधान सारकें ना. विधान खंयच्याच शास्त्रीय संदर्भा विणें केलां.
b.	बंदरांत येवच्या पयलीं कोळसो कार्गोची तपासणी कोण करता? जर पॅसेजरांची बॅग विमानतळाचेर तपासतात जाल्यार बंदराचेर येवच्या पयलीं कोळश्याचीं लेगीत तपासणी जावंक जाय.	जाप दिवंक ना.
c.	बारीक कोळसो-धुल्लाक लागून भलायकेचे साबार प्रस्न निर्माण जातात. बारीक धुल्लांत श्वसनीय धुल्ल अशेंय म्हणटात. ताका लागून गंभीर स्वसनाचे आजार जातात.	विधान सारकें ना. 1. ए., आनी 4. सी. दिल्ल्यो आमच्यो जापो पळोवच्यो.
d.	हो कोळसो सोंसप भोवच धोकोदायक आसता.	विधान सारकें ना.
e.	वास्कोच्या हवेंतल्या कोळश्याचे घनकण तपासूंक गों.रा.प्र.नि. मंडळ सज्ज आसा?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	मंडळ ह्या विशयाचेर स्रोत अभ्यास करतलें, अशें मंडळाच्या अदिकाऱ्यांनी सांगलें.	-
g.	ह्या पांवड्यार मंडळा कडेन हवेंतल्या कोळसो-धुल्लाचें प्रमाण निश्चीत करपाक मंडळ असमर्थ आसा हें धक्कोदायक आसा.	जाप दिवंक ना.
h.	घातक कोयर प्रदुशणाक लागून कुंकळ्ळी हांगा जाल्लें प्रदुशण नियत्रीत करपाक मंडळाक अपेस आयलां. तशेंच तरेन वास्को शारांतलें कोळसो प्रदुशण आडावप मंडळाक जावचें ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.

i.	कोळश्याच्या बारीक धुल्लाची तपासणी सेगीत करपाक जाय आनी तपासणेचे तपशील जाहीर करपाक जाय.	भौ.ह.गु. प.प्र.त.त दिल्या.
j.	कोळसो धुल्ल तपासणे खातीर एक यंत्रणा नियुक्त/स्थापन करपाक जाय. पूर्वनिश्चीत हॉस्पिटलांनी प्राधिकरिणी नियुक्त करून कोळश्या कडेन संबंदीत दुयेंसांचेर उपचार करपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
k.	गोंयांत मनविमनस्कतायेच्यो (ऑटिस्टिक) केशी वाडत आसात, तांचो सोद घेवपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
l.	कोळसो प्रदुशणाक लागून जाल्ल्या पिवपाच्या उदकाच्या प्रदुशणाचो अभ्यास गों.रा.प्र.नि.मं.न करूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
m.	कोळसो धुल्लाक लागून हवेंत पाण्याचो स्राव जाता. भिडाचे 114 पावंड आनी कॅडमियमाचे 4 पावंड जर मातवी पेशींत गेले जाल्यार मज्जा संस्थेचेर परिणाम जावं येता.	जाप दिवंक ना. एस.डब्लू.पी.एल. निर्धारीत मर्यादे भितर प्रदुशण उरतलें हाची खात्री करता.
n.	कोळसो प्रदुशणाक लागून मज्जासंस्था, कार्डिओ व्हॅस्क्युलर तशेंच श्वसन-यंत्रणेक बादा येता.	जाप दिवंक ना.
o.	कोळसो प्रदुशणाक लागून काळजाच्या आताकांची संख्या वाडत आसा.	जाप दिवंक ना.
p.	हवा नियमांत सुदारणा करपाची गरज आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
q.	हवा आनी उदक अधिनियमात बदल करून मंडळान कोळसो धुल्ल प्रदुशण नियंत्रणांत हाडूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
r.	कोळसो प्रदुशण गुरवार बायलेन सोंसलें जाल्यार नव्यान जल्मल्ल्या भुरग्या भितर दोश निर्माण जाता.	जाप दिवंक ना.
s.	कोळसो प्रदुशणाक लागून माती आनी उदक प्रदुशण जाता.	जाप दिवंक ना.
t.	कोळसो प्रदुशणाक लागून उद्देगीक ब्रॉंकिटीस निर्माण जाता.	जाप दिवंक ना.
u.	धुल्ल सोंसणे काळ आनी कोळश्याचो वापर उणो करप अशें धोरण प्र.प्र.न. राबोवंक जायवा कोळसो हाताळणी थारावपाक जाय.	वै.सु.उ. (मास्क, गॉगल, संरक्षक कपडे) अती धुल्ल वाठारांत वावुरपी कामगारांक दितात. चड पयसुल्ल्या वाठारांनी वेवसायीक धोके ताळपा खातीर एच.ए.पी.ए. गाळण्यो दितात.
v.	विश्लेशण हें अग्रगामी आसता.	विधान सारकें ना.

w.	'पेस्टेली' (राजकी, अर्थीक, समाजीक, तकनिकी, पर्यावरणी विधी आनी उद्देगीक धोरण). अशें पेस्टेली विश्लेशण वा अभ्यास कोळश्याचे येरादारी वेळार जावपी धुल्ल स्रावां खातीर करूंक ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
x.	दरेके वेगनींतल्यान सुमार 300 कील कोळसो गळटा, जाल्यार मुखा वयले येरादारीक लागून जावपी गळटी बेसुमार जातली.	विधान सारकें ना. रेल्वेचें वॅगन्स पुराय धांपिल्ल्यो आशिल्ल्यान गळटी आडावता.
y.	कोळश्यांत जड धातू आसता आनी ताच्या प्रभावाची तपासणी जायना.	विधान सारकें ना.
z.	हया गजालींच्या अभावान, कोळसो हाताळणेक मंजुरी दिवंक जायना.	जाप दिवंक ना.
aa.	गोंय सरकाराचें कसलेंय उद्देगीक धोरण आसा ? असो प्रस्न केलो. उद्देगीक धोरण तयार करतना भौशीक सहभाग आसप गरजेचें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	61. श्री. अभिजीत प्रभुदेसाय	
a.	हे भौशीक सुनावणेचें संकलन जावंक जाय आनी इतिवृत्ताक मान्यताय दिवंक जाय. भौसान विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो प्र.प्र.न भेटोवंक जाय.	जाप दिवंक ना.
	ताचेर अध्यक्षांनी ही सुनावणी आजून पुराय जावपाची आसा, इतिवृत्त वाचपाचें आसा, अशें सांगलें.	-
	62. श्री. ओलेंन्सियो सिमोयश	
a.	सुनावणेंत उलोवपा खातीर नांव बरोवपाचे रितीक तांणी विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	तांणी कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो	जाप दिवंक ना.
	63. श्री. परशुराम शेट्ये, वास्को	
a.	कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत करून, भौशीक सुनावणेंत उलोवपाच्या लोकांच्या स्वातंत्र्याचेर अध्यक्ष मर्यादा घालपाक शकना, असो मुद्दो उपस्थीत केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	प.प्र.त. अधिसुचोवणेंत नांवां बरोवपाची प्रक्रिया ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	अध्यक्षांच्या वर्तना विशीं खर विरोध केलो आनी प.प्र.त. अधिसुचोवणेचें उल्लंघन जालां, अशें सांगलें. सद्याचो प्रस्ताव भायर मारापक जाय. आपणें उपस्थीत केल्ल्या हरकतीचें दृश्यचित्रण जावंक ना.	जाप दिवंक ना.

	हे सुनावणेचो शेवट जावपाचे नदरेन उलोवप्यांनी आपलीं नांवां नोंद करप गरजेचें, जाका लागून तांकां 29/04/2017 दिसा उलोवपाक मेळटलें. ही सुनावणी 29/04/2017 मेरेन स्थगीत केल्या अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
d.	श्री. शेट्ये हांणी ही सुनावणी 29/04/2017 मेरेन फुडें धुकलपाच्या अध्यक्षांच्या निर्णयाक आव्हान दिलें. तशे तरेन सुनावणी फुडें धुकलपाक कायद्यांत तरतूद ना. अध्यक्षांची ही कृती म्हणल्यार भौसाचो अपमान. भौशीक सुनावणेक उलोवपाच्या लोकांच्या हक्काची राखण जावपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	प्र.प्र.वा मंडळ हांचे कडल्यान कसलीच चूक जाली जाल्यार भौशीक सुनावणी फुडें धुकलूं येता. तांणी हे विशीं सविधानीक मुद्दो उपस्थीत केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	आयजचे भौशीक सुनावणेक उलोवपाचो लोकांचो हक्क लोकांचो न्हयकारला.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	अध्यक्षांनी ही सुनावणी 29/04/2017 मेरेन फुडें धुकलपाच्या निर्णयाक लागून प.प्र.त. अधिसुचोवणेचें उल्लंघन जालां. अध्यक्षांनी आपणाक जबरदस्तेन माचये वयल्यान सकयल दैवोवन उलोवपाच्या हक्का पसून वंचीत केला. आपल्या फुडल्या प्रस्नांक लेगीत जाप मेळूंक नाः 1) जे उलोवंक सोदतात तांकां नांवां कित्याक दिवची पडटात? 2) ही सुनावणी 29/04/2017 दिसा खंयचे तरतुदी प्रमाण फुडें घुल्ली?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	64. संदीप दळवी	
	अध्यक्षांनी संदीप दळवी हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	65. लुमिना आल्मेदा	
	अध्यक्षांनी लुमिना आल्मेदा हांकां उलोवपाक आफयले	ती हाजीर नाशिल्ली.
	66. संकल्प आमोणकार	
	अध्यक्षांनी संकल्प आमोणकार हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	67. एडवीन मास्कारन्हेस	
	अध्यक्षांनी एडवीन मास्कारन्हेस हांकां	ते हाजीर नाशिल्ले.

	उलोवपाक आफयले	
	68. दिनेश डायस	
	अध्यक्षांनी दिनेश डायस हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	69. जुजे फिलिप डि'सोजा	
a.	तांणी कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो. हे भौशीक सुनावणेक विरोध करपी सगळे लोक भायले हया एम.पी.टी. च्या अध्यक्षांच्या विधानाचो तांणी निशेध केलो. हया विधानाक लागून गोंयकारांचो अपमान जाला देखून तीं उतरां फांटी घेवपाक जाय आनी तांणी गोंयकारांची माफी मागूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	एम.पी.टी. चे अध्यक्ष गोंयकारां मदीं फूट घालूंक सोदतात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	सुनावणेच्या अध्यक्षांनी एम.पी.टी. च्या प्रतिनिधींक लोकांच्यो भावना एम.पी.टी.च्या अध्यक्षां मेरेन पावोवपाची सुचोवणी केली.	-
	70. सावियो कुरैय, मांगोर हिल, वास्को.	
a.	कालचे भौशीक सुनावणेक जिल्ल्याधिकारी, दक्षिण गोंय हाजीर नाशिल्ले, अशें तांणी सांगले.	जाप दिवंक ना.
b.	एम.पी.टी. अध्यक्षांच्या विधानाक तांणी विरोध केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	प्र. प्र. आनी लोक हांचे मदलो संवाद म्हणल्यार भौशीक सुनावणी.	जाप दिवंक ना.
d.	एम.पी.टी. न जर विधान फाटीं घेतलें ना जाल्यार पुराय भौशीक सुनावणी फुकट वता आनी तिका कांयच अर्थ उरना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	भौशीक सुनावणी चालू आसतना, अध्यक्षांनी प्रसिद्धी पत्रक काडलां, ताचे वेल्यान हे भौशीक सुनावणेच्या प्रक्रियेचें उल्लंघन जालां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	वास्को भायल्या लोकांक हे सुनावणेंत उलोवपाक परवानगी दिल्ले खातीर सभेच्या अध्यक्षांक एम.पी.टी. चो अध्यक्ष विरोध करता.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	एम.पी.टी. न. त्या विधाना खातीर लोकांची माफी मागची. एम.पी.टी. अदानी आनी जिंदाल हांच्या इशाऱ्यांचेर नाचता, अशें तांणी सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

h.	एक जबाबदार गोंयकार ह्या नात्यान, प्रकल्प प्रस्तावकाच्या उपक्रमांक लागून निर्माण जाल्ले कोळश्याचे सुक्षीम घनकण लोकांच्या फुफ्फुसांनी वतात आनी ताका लागून भलायकेचे प्रस्न उप्रासतात, अशें तांणी सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	71. श्री. उद्धव पोळ	
	अध्यक्षांनी श्री. उद्धव पोळ हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	72. श्री. नाजिर खान	
	अध्यक्षांनी श्री. नाजिर खान हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	73. श्री. एडवीन डिसोजा, वास्को, खारेवाडो.	
a.	आपूण एक बाधीत व्यक्ती आसां.	जाप दिवंक ना.
b.	आपूण निशेधा सयत सादरीकरण करतां. लोकांक मुक्तपणान उलोवपाची परवानगी ना.	जाप दिवंक ना.
c.	खारीवाडया वयल्या लोकांक कोळसो खावपाची आनी पिवपाची सक्ती जाल्या.	जाप दिवंक ना.
d.	प्रकल्प प्रस्तावका कडेन सुखेची परवानगी नासतना लेगीत विस्तारा खातीर परवानगी कशी दिवं येता?	एस.डब्लू.पी.एल.न प.रा.ह.ब.मं. क्षमताय वृद्धी खातीर सं.सं. मेळोवपा खातीर अर्ज केला. ही भौशीक सुनावणी त्या अतिरिक्त सं.सं.चे पुर्तताये खातीर घडोवन हाडल्या. वैधानीक मंजुऱ्यो मेळळ्या उपरांतच प्रत्यक्ष कामांक सुरवात जातली.
e.	प्र.प्र.न सगळी कोळसो हाताळणी बंद करची. प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	74. श्री. जॅक डिसिल्वा, गोंयकार, वास्को	
a.	आपूण निशेधा सयत उलयतां.	जाप दिवंक ना.
b.	आपलें घर दर्यादेगेर आसा.	विधान सारकें ना.
c.	आपूण गोंयकार आसा, भायलो न्हय.	जाप दिवंक ना.
d.	काल एम.पी.टी. च्या अध्यक्षाक सुनावणेक येवन लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवपाची विनवणी केल्ली. पूण आपूण व्यस्त आसा, अशें सांगून तो आयलो ना. पूण प्रसिध्दी पत्रकां काडपाक मात ताका वेळ आशिल्लो.	जाप दिवंक ना.
e.	एम.पी.टी. च्या अध्यक्षान गोंयकारांचो अपमान केला.	-
f.	सद्याची कोळसो हाताळणी तशेंच 5 ए आनी 6 ए बर्थ हांकां लागूनचें प्रदुशण हाताभायर गेलां आसतना प्र. प्र. क विस्तारा खातीर कशी परवानगी दिवं येता?	विधान सारकें ना.
g.	एक जागृत गोंयकार म्हूण कोळसो हाताळणेक लागून निर्माण जाल्ल्या बारीक धुल्लाक लागून लोकांक फुफ्फुसाचीं दुयेसां जातात.	1. ए. आनी 4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

h.	विकास अशें विस्तारायें एक कारण एम.पी.टी.न दिलां. पूण लोकांचे वेवसाय आनी जिवीत हांच्या कुस्ताचेर विकास जावपाक शकना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	कोळसो प्रदुशणाक लागून उदाकांतलें मर्क्युरी (पारो) चें प्रमाण वाडिल्ल्यान नुस्त्यायें संदुशण जाता, जें लोका खातात.	विधान सारकें ना.
j.	प्र.प्र. आपल्या उपक्रमाक लागून प्रदुशण करता. हें मंडळान मान्य केलां आनी तांकां तांचें उत्पादन 25% न उणें करपाक सांगलां.	
k.	प्रदुशण उणें करचें अशें मंडळान प्र.प्र.क कितले फावट सांगलां? प्र.प्र.न तांचे आदेश मानल्यात व्हय ? अशे प्रस्न विचारले.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
l.	ताचेर जाप दितना प्र.प्र.चे प्रदुशण स्तर चड नोंद जाल्ल्यान तांकां प्रमाण उणें करपाचो आदेश दिला, अशें मंडळाच्या प्रतिनिधीन सांगलें.	-
m.	मंडळआन एम.पी.टी. आनी प्र.प्र.क प्रदुशणाचे स्तर चड आशिल्ल्यान उद्देग पुराय थांबोवपाचो आदेश दिवचो.	जाप दिवंक ना.
n.	मंडळाचे दिरंगायेक लागून वास्कोकारांची भलायकी इबाडटा.	जाप दिवंक ना.
o.	वास्कोकारांक भायले म्हणपाच्या एम.पी.टी.च्या अध्यक्षांच्या विधानाचो विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
p.	कोळसो प्रदुशणा आड प्र.प्र.चेर मंडळान बेगोबेग कारवाय करची.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
q.	जर आपणें कर्तव्य सारकें केलें जाल्यार तुमकां मान बागोवची पडना.	जाप दिवंक ना.
	75. ग्रासियस कुतिन्हो, वास्को	
a.	ओल्ड क्रॉस फिशिंग सोसायटीचो सचिव.	
b.	आपणाक जायतें उलोवपाचें आसा, पूण वेळेची मर्यादा 5 मिनटां आशिल्ल्यान चड उलोवपाक मेळना.	जाप दिवंक ना.
c.	वास्कोंतले कोळसो हाताळणेक विरोध केल्लो.	जाप दिवंक ना.
d.	आपलो इश्ट फुफ्फुसाच्या दुर्येसाक लागून मेलो. आपलो बापूय लेगीत फुफ्फुसाच्या कॅन्सराक लागून मेलो.	जाप दिवंक ना.
e.	वास्कोंत उदकाचो उणाव आसा, पूण एम.पी.टी. मात 7 लाख लीटर उदक वापरता.	5. ई दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	वास्कोंतल्या कोळश्यां-ट्रक-येरादारीचेर प्र.नि.मं.चें नियंत्रण आनी देखरेख ना. आपणाक वास्कोंतल्या रस्त्यांचेर कोळसो दिश्टी पडटा.	35. ञ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

g.	वास्को खाडींत कोळसो भरिल्ल्यान नुस्तेंमारी उणावल्या आनी देखून मंडळाक कारवाय करपाची विनवणी केली.	15.ट आनी 15. त क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
h.	वास्कोंत कोळसो प्रदुशण जाल्ल्यान नुस्तेकारांक वास्कोंत रावपाक मेळना आनी देखून तांकां रोजगार मेळना. वर्स दोन वर्सां भितर तांकां वास्को सोडचें पडटा.	जाप दिवंक ना.
i.	खूब उलोवपाचें आसा पूण वेळ सौंपिल्ल्यान थांबतां.	जाप दिवंक ना.
j.	ड्रेजिंग विशयांतली सुनावणी केन्ना सुरू जातली? आपणाक ते वेळार परतो येवन उलोवपाचें आसा, अशें तांणी अध्यक्षांक विचारलें. ताचेर अध्यक्षांनी ती सुनावणी दनपरां 2:45 वरांचेर सुरू जातली, अशें सांगलें.	जाप दिवंक ना.
k.	रजिस्टरांत नोंद जाल्ले प्रमाण उलोवप्यांची नांवां वाचून दाखोवपाची मागणी केली.	-
l.	ताचेर अध्यक्षांनी ताका ड्रेजिंग सुनावणे वेळार 2:30 वरांचेर सुरवेक उलोवपाक परवानगी दितले, म्हूण जाप दिली.	जाप दिवंक ना.
	76. सुरेश नायक, वास्को :	
a.	जे.एस.डब्ल्यू., अदानी हांच्या एम.पी.टी.न मान्यताय दिल्ल्या उपक्रमाक लागून जावपी कोळसो प्रदुशणाक खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	धुल्ल प्रदुशणाक लागून जायते अपघात घडटात. धुल्लाक लागून मुखार दिसपाचें प्रमाण उणें जाता आनी अपघात घडटात.	1. ए., 1. घ आनी 4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	जिल्ल्याधिकारी आनी मंडळ कोळसो धुल्ल प्रदुशण थारावपाक कांय कारवाय करिना. मंडळान कितें कारवाय केल्या? असो प्रस्न विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	कोळसो हाताळपी कंपन्यांक तांचे उत्पादन 25% उणें करपाचो आदेश दिलो, अशी जाप मंडळान दिली.	प्र.प्र.न जापे सयत निर्देशांची गरजेची पुर्तताय केल्ल्यान जाप दिवंक ना.
e.	धुल्ल प्रदुशणाक लागून वास्कोकारांक मास्क वापरचे पडटात. लोकांक मंडळ मास्कांची पुरवण करतलें व्हय, ताची जाप तांणी मंडळाक विचारली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	आयजचे तारखेक कोळसो धुल्ल प्रदुशण उणें जालां व्हय? असो प्रस्न मंडळाक तांणी हालींच वास्कोंत केल्ले भों.ह.गु. तपासणे वेल्यान विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

g.	मंडळाच्या प्रतिनिधींनी कांयच जाप दिवंक ना, हाचो अर्थ तांणी तांचें कर्तव्य करूंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
h.	भौशीक सुनावणेंत लोकांचे मागणे प्रमाण मंडळान केल्ल्या ध्वनी-प्रदुशणाचे तपासणेंच्या अहवाला प्रमाण, उद्देग सुरू आसतना ध्वनी-प्रदुशण स्तर 75 डीबी(ए) आशिल्ले नोंद जाल्ल्यात, जे दोनूय उद्देग चालू आसल्यार मर्यादा हुपतले.	उल्लेख केल्ले माहिती संकलनाची तारीख, वेळ आनी थळा विशीं आमकां खबर ना. देखून आमी जाप दिवपचें टाळटात.
i.	मंडळाच्या प्रतिनिधीक लोकांनी विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दिवपाचो आधिकार आसा? असो प्रस्न केलो. ताचेर अध्यक्षांनी तांकां तसो अधिकार आसा, अशें सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
j.	मंडळ जापो दिवंक न्हयकार दिवन अदानी आनी जिंदाल हांकां तेंको दिता.	-
k.	पुराय वेवस्था अपेशी थारल्या.	जाप दिवंक ना.
l.	अध्यक्षांक ही भौशीक सुनावणी घेवंक आयलीना.	जाप दिवंक ना.
m.	ताचेर अध्यक्षांनी आपूण ही सुनावणी प.प्र.त. अधिसुचोवणे प्रमाण घडोवन हाडटा, अशें सांगलें.	जाप दिवंक ना.
n.	खंयच्या कायद्या प्रमाणलोकांक फकत 5 मिनटां उलोवप दिलां? असो प्रस्न विचारलो.	-
	ताचेर जाप दितना नांव नोंदणी केल्या त्या सगळ्या लोकांक उलोवंक मेळचें म्हूण आपूण अशें केलां, अशें अध्यक्षांनी सांगलें. त्याभायर लिखीत निवेदनां भेटोवं येतात - तांणी फुडें सांगलें.	-
	77. श्री. पीटर आंद्राद	
	हे भौशीक सुनावणेच्या पयल्या दिसा, म्हणल्यार 26/04/2017 दिसा उलयल्यात, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
	78. श्री. कस्तोदियो डि'सौजा, खारीवाडो.	
a.	ओल्ड क्रॉस सोसायटीचे अध्यक्ष आनी 'गोवा अगेन्स्ट कोल' चे निमंत्रक	
b.	आपल्याक उलोवपाक कितलीं मिनटां मेळटली? असो प्रस्न विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	अध्यक्षांनी तांका 6 मिनटां मेळटलीं अशें सांगलें.	-
d.	उलोवपाचे वेळेचेर मर्यादा घालपाच्या अध्यक्षाच्या आदेशाचेर कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

e.	आपूण दरेकल्याक उलोंवपाक 5-6 मिनटां वेळ दिवपाचो आदेश दिल्ल्याचें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
f.	हो आदेश आयजच्या दिसाची सुनावणी चालू जातना आपणें काडिल्ल्याचें सांगलें. हो आदेश खंयच्या कायद्या खाला काडला? असो प्रस्न तांणी केलो.	जाप दिवंक ना.
g.	अध्यक्ष आपल्या प्रस्नाक जाप दिना आनी आपल्याक 6 मिनटां उलोवपाची सक्ती करता, अशें तांणी सांगलें.	जाप दिवंक ना.
h.	लोक आपल्यो अडचणी/प्रस्न घेवन उलोवपाक आयल्यात, तांका 5 मिनटांची मर्यादा पावना, अशें तांणी सांगलें.	जाप दिवंक ना.
i.	अध्यक्षांनी वेळेचेर मर्यादा घालपाचो आदेश लिखीत स्वरुपांत दिवपाची आनी आता मेरेनचें इतिवृत्त वाचून दाखोवपाची मागणी तांणी केली.	जाप दिवंक ना.
j.	व्यासपिठाचेर तीन व्यक्ती कश्यो बसल्यात काय म्हूण तांणी विचारलें.	जाप दिवंक ना.
k.	जिल्ल्याधिकारी वा अतिरिक्त - जिल्ल्याधिकारी आनी गों.रा.प्र.नि. मं. चो प्रतिनिधी सुनावणेचें अध्यक्षपद करतात अशें अध्यक्षांनी सांगले. अतिरिक्त-जिल्ल्याधिकारी आपणाक इतिवृत्त नोंद करपाक मदत करता, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
l.	हे भौशीक सुनावणेचो अध्यक्ष कोण? असो प्रस्न तांणी विचारलो.	जाप दिवंक ना.
m.	अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्यान ही भौशीक सुनावणी बरे तरेन चलयल्ली. आयज जित्ल्याधिकारी आडखळी उत्पन्न करता आनी वेळेचेर मर्यादा घालता, अशें तांणी सांगलें.	जाप दिवंक ना.
n.	तांचो उलोवपाचो वेळ सोंपिल्ल्यान तांणी सकयल दिंवचें असो आदेश अध्यक्षांनी दिलो.	-
79. श्री.आरकान्झ गुरजांव.		
	अध्यक्षांनी श्री.आरकान्झ गुरजांव हांकां आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
80. श्रीमती पुजा मित्रा गुरजांव .		
	अध्यक्षांनी श्रीमती पुजा मित्रा गुरजांव हांकां आफयले	ती हाजीर नाशिल्ली.
81. श्री. देवू काणकोणकार		
	अध्यक्षांनी श्री. देवू काणकोणकार हांकां आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
82. श्री. एनरिको डायस		

	अध्यक्षांनी श्री. एनरिको डायस हांकां आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	83. श्री. साल्वादोर फर्नांडीस	
	अध्यक्षांनी श्री. साल्वादोर फर्नांडीस हांकां आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	84. श्रीमती प्रिसिलिया फर्नांडीस	
	अध्यक्षांनी श्रीमती प्रिसिलिया फर्नांडीस हांकां आफयले	ती हाजीर नाशिल्ली.
	85. श्री. कस्तोदियो डि'सौज	
a.	मॅक्सी कुरैय हांकां सुनावणेंत उलोवपाक आफयतकीच तांकां वाट मेकळी करुन दिवपाक न्हयकार दीत तांणी पोडियम सोडूंक न्हयकार दिलो. अध्यक्षांनी तांकां चडावत 5 मिनटां दिवन ते उपरांत पोडियम सोडपाचो आदेश दिलो.	जाप दिवंक ना.
b.	खंयचे तरतुदी खाला अध्यक्षांनी उलोवप्यांचे वेळेचेर मर्यादा घातल्या तें जाणून घेवपाक प्रस्न केलो.	-
c.	तांणी उलोवपाक 2 वरांचो वेळ मागलो, पूण अध्यक्षांनी ताका फकत 5 मिनटां मेळटलीं, अशें सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	आपूण पोडियम सोडचो ना आनी अध्यक्षांनी आपणाक बळजबरीन पयस काडचें पडटलें, अशें. तांणी सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	एम.पी.टी. च्या अध्यक्षांनी भौशीक सुनावणेक भायले लोक येतात आनी वास्कोकारांचो प्रकल्पाक विरोध ना, अशें वक्तव्य केलां, तें तांणी न्हयकारलें आनी आपूण वास्कोकार अशें सांगलें. भौशीक सुनावणेक एम.पी.टी. चे प्रतिनिधी कोण तें जाणा जावपाची इत्सा परगटायली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	ताच्या विधानाचें खरेंपण करपाक एम.पी.टी. च्या अध्यक्षाकसुनावणेक आफोवन घेवपाक जाय अशी मागणी केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	कलेक्टरान आदेश जारी करुन ताका काडून उडोवपाची मागणी केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
h.	दक्षिण गोंयच्या जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी आयजचे सुनावणेक हजर रावन कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न निर्माण केला.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	सगळ्या लोकांक उलोवपाची समान संद दिवंक जाय. ही सुनावणी गंभीर आसा आनी वास्को आनी गोंयच्या फुडारा कडेन संबंदीत आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

j.	लोकांक आपल्यो हरकती सादर करपाक 02/05/2017 मेरेन दिवपी आदेश जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी खंयचे तरतुदी खाला काडला? तें सांगपाची विनवणी केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
k.	आपूण प. प्र. त. अधिसुचोवणे प्रमाण घालून दिल्ली प्रक्रिया पाळटां अशें अध्यक्षांनी सांगलें. सगळ्या लोकांक उलोवपाक समान संद मेळची म्हूण आपणें वेळ निर्धारीत केल्या अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	जाप दिवंक ना.
l.	आपलें सादरीकरण करुंक प्रकल्प प्रस्तावकान कितलो वेळ घेतिल्लो, तें जाणून घेवपाची मागणी केली. कलेक्टर प्रकल्प प्रस्तावक आनी लोक हांचे मदीं भेद करता, अशें तांणी सांगलें.	-
m.	उलोवपाचेर 5मिनटांची मर्यादा भौशीक सुनावणेच्या पयल्या दिसाच घालपाक जाय आशिल्ली. काल अतिरिक्त कलेक्टरान उलोवपाची मर्यादा 5 मिनटां, असो उल्लेख कित्याक करूंक ना?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
n.	अध्यक्षांनी ताका सांगलें, ताचीं 20 मिनटां जालीं तरी ताणें आपलें सादरीकरण करुंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
o.	गों.रा.प्र.नि. मंडळान आयज खबरापत्रांत जारी केल्ले सुचोवणे भितर 5 मिनटांचे मर्यादेचो उल्लेख ना. देखून वेळेचेर मर्यादा कलेक्टरान घातल्या काय हेर कोणें, तें जाणा जावन घेवपाची इत्सा परगटायली.	-
p.	वेळेची मर्यादा काल सांगूंक जाय आशिल्ली, आयज 10:30 वरांचेर न्हय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
q.	खंयचे कायदो आनी सुव्यवस्थे खाला 5 मिनटांची वेळमर्यादा लागू केल्या ताची जाप दिले बगर आपूण सादरीकरण करूंक शकना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
r.	पुलीस आनी कलेक्टरान आपल्याक बळजबरेन हालयलो अशें कस्तोदियो डि'सौज हांणें सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	86. मॅक्सी कुरैय, वाडें	
a.	आपूण निशेध करून उलयतां.	जाप दिवंक ना.
b.	भौशीक सुनावणेक पुलीस कित्याक दवरल्यात?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	पुलीस भौसाक धमकायतात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	आपूण कॅन्सर पेशंट आसां. आपूण भौसा सयत पोडियमाचेर वळवळटां जाल्यार अधिकारी मात सुशेगाद बसल्यात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

e.	एम.पी.टी. चो कोणूय प्रतिनिधी माचयेर आसा काय म्हूण ताणें निशेधान विचारलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	अध्यक्षांनी तीनूय प्रकल्प एकामेका परस वेगळे अशी जाप दिली..	-
g.	जे.एस. डब्ल्यू. च्या अधिकाऱ्यांनी आपली वळख करुन दिली.	श्री. आर. आर. पात्रा – उपाध्यक्ष. एन्थनी फर्नांडीस – युनिट मुखेली.
h.	कोळसो प्रदुशणाक लागून दुयेंत पडपी पेशंटांक मदत करुंक जे.एस.डब्ल्यू. न कसलीं पावलां उबारल्यांत? असो प्रस्न केलो.	लोकांच्यो हरकती नोंद करुन घेतले आनी तांकां मागीर जाप दितले अशें जे.एस.डब्ल्यू. च्या प्रतिनिधीन सांगलें.
i.	लोकांच्यो सगळ्यो हरकती नोंद करुन निर्णया खातीर ई. ए. सी. क धाडटले अशें अध्यक्षांनी सांगलें .	-
j.	हे भौशीक सुनावणेक लागून कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न उप्रासल्यार अध्यक्ष जापसाल आसतलो काय म्हूण प्रस्न अध्यक्षाक केलो.	जाप दिवंक ना.
k.	हया प्रकल्पाक आजून मान्यताय मेळिल्ली ना आनी तो फकत मुळावे स्थितींत आसा आनी लोकांच्यो हरकती लक्षांत घेतल्या उपरांतच ई. ए. सी. ताचेर विचार करतली, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
l.	जे.एस.डब्ल्यू. तांच्यो कोळश्यांच्यो राशी धांपता वा ना असो प्रस्न विचारलो.	कोळश्यांच्यो राशी ताडपत्रेन आनी कन्वेयर पट्टे लेगीत शक्य थंय धांपतात, तशेंच एक धांपिल्ली शेड बांदपाचो प्रस्ताव आसा, अशी जाप जे.एस.डब्ल्यू. च्या प्रतिनिधीन दिली.
m.	आपली वेवस्थापनाची सराव-चांचणी जे.एस.डब्ल्यू. न निमाणी केन्ना केल्ली? असो प्रस्न विचारलो.	प्रस्नाक लिखीत जाप दितले अशें प्रतिनिधीन सांगलें. एस.डब्लू.पी.एल. सुरक्षा कार्यशाळा धरून सर्वसामान्य पद्धती आनी नेम हांचें प्रमाण सुरक्षा चांचण्यो घडोवन हाडटा.
n.	इंधनाचो आनी अमोनिया टांकयांचो स्फोट जाल्यार जे.एस.डब्ल्यू. कडेन आपली वेवस्थापनाची कसलीच येवजण ना.	आपत्ती वेवस्थापन येवजण, हातूंत सैमीक आनी मनीस-निर्मीत संकश्टांचो विचार केला तशेंच तांचे खातीरची सज्जताय आनी प्रतिक्रिया येवजण तयार केल्या. 40 एसएस क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
o.	हया मुद्दयाचेर जे.एस.डब्ल्यू. कडल्यान जापेची मागणी केली.	86. एच क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
p.	अध्यक्ष भौशीक सुनावणेच्या सुरळीत कामकाजांत बादा हाडटा.	जाप दिवंक ना.
q.	भौसाच्या प्रस्नांक जे.एस.डब्ल्यू. जापो दिनाशिल्ल्याची नोंद जाली.	86. एच क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

r.	जर जे.एस.डब्ल्यू.7 दशलक्ष लीटर उदक वापरतली जाल्यार थळाव्यांक उदका पुरवण कशी जातली? प. प्र. त. अहवालांत ह्या उदकाचो स्रोत सांगिल्लो ना.	प.प्र.त.च्या पाठ 5च्या अनुभाग 5.3.2.च्या पान 5-15 भितर सांगिल्ले प्रमाण ह्या प्रकल्पाक सुमार 500 कि.ली./दी उदक लागतलें. पोर्ट टर्मिनलाचेर सद्याक 200-250 कि.ली./दी. एम.पी.टी.च्या सां.प्र. 3.तल्यान प्रक्रियाकृत सांडपाणी वापरता. उदकाची अतिरिक्त गरज भौ.बां.खा.न चलयल्ल्या 2300 कि.ली./दी. सी.ई.टी.पी. उद्देगांतल्यान भागयतले.
s.	आपल्या उद्देगांत जे.एस.डब्ल्यू. थळाव्या गोंयकारांक रोजगार दिना.	46. झ आनी 46. ञ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
t.	आपलें पुराय सादरीकरण नोंद करुन घेवपाची विनवणी तांणी केली. जिल्ल्याधिकारी ह्या नात्यान ताणेंय लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
xxxii.	What type of method will be used for dredging? How much area will be dredged?	No dredging is involved in the project.
xxxiii.	Please give details of the capital dredging and maintenance dredging.	No dredging is involved in the project.
xxxiv.	Have the TORs been fully complied with?	The EIA study was carried out in accordance with the ToR issued by MoEFCC.
xxxv.	Does EIA has been made in line with MoEF guidelines for Ports and Harbours?	The EIA report is prepared based on sector specific EIA Guidance Manual for Ports & Harbours.
xxxvi.	What is the impact of the ballast water on marine biodiversity? What provision is being made in this project to handle ballast water, bilge water etc. ?	The marine waterside activity is controlled by the MPT, since the conservancy of the port is vested on them. SWPL has no control on navigation, ship manoeuvring and other allied activities. Ballast water guidelines are communicated to the vessels by MPT and the same are enforced strictly as known to us.

xxxvii.	The project is proposed in phases. A full picture is required to understand the impacts of the project in its entirety. Piece-mealing the project doesn't reveal the full impact, and it is essential that all components of the project should be assessed in their entirety.	Query is not clear; hence no response is offered.
xxxviii.	How will the coal be stored and transported?	The coal stacks are always kept covered with tarpaulin except at the time of stacking and reclaiming which is carried out under water sprinkling. There is no road transportation of cargo in the Project at present and the same is not proposed in the proposed modernization phase as well. Cargo is transported by rail. The covering of train cargo cars is carried out immediately and automatically, after the loading operation using the in-motion wagon loading system with all round rope sealing thus not leaving any possibility of any escapement of cargo. This is a zero-escapement and zero error activity, carried out with utmost stringency by the project proponent.
xxxix.	What steps are being proposed to reduce the existing and proposed pollution?	Pls. refer to response to 1(iii).
xl.	What are the existing facilitates for the parking, washing, repairs and maintenance of the trucks and other heavy equipment's?	No trucks or road transport is presently carried out and the same shall continue.
xli.	What facilities will be provided for drivers and cleaners?	No trucks or road transport is presently carried out and the same shall continue.
xlii.	Acquisition of land for roads, rail, canals, pipelines, transmission lines etc. will also lead to fragmentation of the land and will lead to change in the land use and land cover of the area. What steps are proposed to minimise this impact?	No land acquisition is involved in the project.
xliii.	Please furnish full details and show on map the area allotted for parking of trucks and storage of containers both inside and outside the port based on the assessment of maximum numbers of trucks and containers that will be handled at any given point of time.	No trucks or road transport is presently carried out and the same shall continue.
xliv.	Please furnish details of facilities being provided to customs, GSPCB and other agencies involved in port related activities within and outside the port.	As the Concessionaire the facilities to customs, GSPCB and other agencies is provided through MPT.
xlv.	How many continuous air monitoring stations are installed in and around the project site? What are the minimum and maximum readings of SO2, NOx, CO, Ozone and PM10 recorded by your monitoring systems? Please also give details of the maintenance carried out on the air monitoring stations, and the costs incurred on the maintenance and repairs of the equipment.	One Continuous air monitoring station is installed in a strategic location suggested by GSPCB. CAAQM is regularly calibrated and maintained by the supplier.
xlvi.	Please also furnish details of the staff employed for carrying out air pollution monitoring and their technical qualifications.	Skilled staffs of SWPL as well as MoEFCC recognised laboratory is engaged for monitoring.

xlvii.	Why is the air monitoring data not available online to the public.	There is a continuous display of the air quality at Chicalim. The data is periodically submitted to GSPCB.
xlviii.	Please furnish a copy of the Cumulative EIA report	The EIA is hoisted on the GSPCB website.
xlix.	Were any measures undertaken presently to safeguard the diversity? Please provide details for the same.	Pls. refer our response to 110(xiii). Also, no marine side activity is to be enhanced due to this project.
l.	Please give details of existing and proposed mitigation measures to protect the flora and fauna of the area	Pls. refer our response to 110(xiii).
li.	Are there any threatened, vulnerable, endangered, critically endangered species of flora and fauna found in the area? Please furnish details of the same.	No threatened, vulnerable, endangered, critically endangered species of flora and fauna is found in the area.
lii.	Are there any species under Schedule I and II of the Wild Life Protection Act (1972) observed in the area? Please furnish with details of the same.	Species listed under Schedule I and II of the Wild Life Protection Act (1972) were not observed in the area
liii.	Please furnish details on the change in the noise levels during the operation phase of the proposed project. Please furnish with mitigation measures of same.	SWPL ensures minimal noise levels during operation. Installation of new equipment with upgraded technology will further reduce the noise levels.
liv.	Please furnish with the safety measures for additional storage of material due to proposed expansion project	No additional cargo storage is envisaged due to this modernisation project.
lv.	Please furnish a copy of the Disaster Management Plan and the Maximum Credible Accident Scenario.	EIA Report, Chapter 6: Risk Analysis and Disaster Management Plan deals with natural and man-made calamities, and a preparedness and response plan for the same. Various scenarios for accident have also been included in the chapter.

एम/एस. सावथ वेस्ट पोर्ट लिमीटेड, मुरगाव बंदर, गोंय वरवी

मुरगाव पत्तन न्यास, मुरगाव, गोंय हांगाच्या 5A आनी 6A हया धक्क्याच्या प्रस्तावित टर्मीनल क्षमताय सुधारणे खातीर

पर्यावरणीय भोवशीक सुनावणेच्या

लेखी प्रस्नाच्यो जापो

सल्लागार:

WAPCOS इंडिया लि., गुरग्राम

(भारत सरकाराचो उपक्रम)

एम/एस. सावथ वेस्ट पोर्ट लिमीटेड, मुरगाव बंदर, गोंय वरवी

मुरगाव पत्तन न्यास, मुरगाव, गोंय हांगाच्या 5A आनी 6A हया धक्क्याची प्रस्तावित टर्मीनल क्षमताय सुधारणा

1.	**चिखली ग्राम कृती समिती, चिखली, गोंय**	
i.	बंदराचो विस्तार करपाचो प्रकल्प तीन वेगवेगळ्या भागात विभागला हे अजाप कशे. अशे करपा फाटल्यान एकूच कारणाची शक्यताय आसूंक शकता आनी ते म्हळ्यार दर एक प्रकल्प ल्हान म्हणून दाखोवप जाका लागून पर्यावरणीय परिणाम उणो दिसतलो. पर्यावरणीय मान्यताय दितना बंदराच्या विस्ताराच्या सगल्या पैलूंचो परिणाम एकठाय मतीत घेवचो.	जरी प्रकल्पाची सुवात मुरगाव बंदरात आसली, तरीय 5A, 6A टर्मीनल एस.डब्लु.पी.एल., गोंय चलयता. ईआयए अधिसूचोवणी 2006 (दुसुस्ती) दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण एस.डब्लु.पी.एलान MoEFCC नवी दिल्ली कडल्यान ईआयए करच्या खातीर संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
ii.	सद्या बंदराच्या वावराक लागून जावपी वायु प्रदुशणाच्या परिणामाचे मुल्यांकन करुंक ना. बंदराच्या विस्ताराच्या पर्यावरणीय परिणामाचे मुल्यांकन करच्या आदी हे करुंक जाय. हे करुंक अपेस येवप म्हळ्यार अविज्ञानीक अभ्यास केल्ले वरीच.	हे निरीक्षण बरोबर ना. मुलभूत सरभोवतणच्या दर्जाची पर्यावरणीय मूलभूत स्थीती, प्रकरण 3, विभाग 3.15, पान क्र. 3-17 चेर तपशीलवार वर्णन केला. बांधकाम आनी कार्यरत पांवड्यार वायु दर्ज्याचेर जावपी परिणाम प्रकरण 4, विभाग 4.2.4, पान क्र. 4.4 आनी प्रकरण 4, विभाग 4.3.4, पान क्रमांक 4-14 हांगा क्रमान दिला.
iii.	बंदराचो विस्तार आनी अतिरीक्त कोळसो आनी लोह हाताळणीक लागून उल्लेखनीय प्रमाणात वायु प्रदुशण जातले. हाका लागून जावपी वायु दर्जाच्या बदलांचे गुणात्मक मुल्यांकन करपाक अहवालात अपेस आयला.	भारत सरकारान अधिसूचित केल्ले वायु उत्सर्जन मानक (NAAQS, 2009) आमी मेळयल्यात. क्षमताय वाड पांवड्यांर योग्य APCMs स्थीपीत करुन आमी उत्सर्जन मानकाक पाळो दितले. प्रस्तावीत उत्सर्जन नियंत्रण उपाय प्रकरण 4, परिणाम मुल्यांकन आनी शमन उपाय, विभाग 4.3.4, पान क्र. 4.10 चेर दिल्यात. प्रस्तावीत क्षमताय वाडीक लागून वायु पर्यावरणाचेर उल्लेखनीय परिणाम जावपाची शक्यताय ना.
iv.	अतिरीक्त कोसळो हाताळणी वा लोह खनीज हाताळणीक लागून अतिरीक्त वीखारो अवजड धातूंचो हवेतल्यान प्रसार जावपाक शकता, जातुतले कांय कांक्र जनक आसात. हया वायु प्रदुशकांचे भलायकेचेर जावपी परिणामांचे मुल्यांकन करपाक धोको मुल्यांकन करपाक जाय. अवजड धातूंचे उत्सर्जन आनी ताका लागून मानवी भलायकेचेर जावपी परिणामांचो उल्लेख अहवालात केल्लो ना.	भारत सरकारान अधिसूचित केल्ले वायु उत्सर्जन मानक (NAAQS, 2009) आमी मेळयल्यात.
v.	बंदर विस्ताराक लागून जावपी अतिरीक्त वायु प्रदूशण भाराचो, खासा करुन ओझोनाचो वनस्पती आनी पीकांचेर उल्लेखनीय परिणाम जातलो. हाचे दर्ज्यात्मक मुल्यांकन करुंक ना.	प्रकल्पातल्यान ट्रोपोस्फेरीक ओझोनाचे मुळावे वा दुय्यम स्रोत ना.
vi.	बंदर विस्ताराक लागून जावपी अतिरीक्त वायु प्रदूशण भाराचो, खासा करुन आम्ल वायु SO2 आनी NO2, चो स्मारकांक कळंब लागून परिणाम जातलो. पोन्ने गोंय हे संसारीक दायज सुवात. हवेतल्या अतिरीक्त आम्ल वायुचो पोन्ने गोंय आनी हेर बांधकामां वेल्या परिणामांचे मुल्यांकन करपाक आयिल्ले अपेस हे फंटींगपण आसा.	प्रकल्पात SO_2 आनी NOx सारखे इंधन ज्वलनाचेर आधारीत प्रदूशकांचो[1] बींदू स्रोत ना. भारत सरकारान अधिसूचित केल्ले वायु उत्सर्जन मानक (NAAQS, 2009) आमी मेळयल्यात. प्रकल्पातल्यान कसलेच अतिरीक्त SO_2 आनी NOx योगदान आसचे ना.

[1] DG सेट सोडून. जे अतिरीक्त आसात आनी अदीमदी तांचो वापर जाता.

vii.	ड्रेजींगाक लागून बंदरातल्या उदकांत अतिरीक्त गढुळताय वाडतली आनी ताच्या जलीय पर्यावरणाचेर परिणाम जातलो अशे अहवालात नमुद केला. कोळसो आनी लोह खनीज हाताळणी क्षणीक उत्सर्जनाक लागून बंदरातल्या उदकांतल्या जलीय पर्यावरणाचेर परिणाम करतली.	आधुनिकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींगाचो प्रस्ताव ना.
viii.	वयर नमुद केल्ल्या प्रकल्पाच्या EIA मसुद्यात चिखली खाडी हया पर्यावरणीय नदरेन अती संवेदनशील नाजूक सुवातीचो उल्लेख वा भासाभास करपाक अपेस आयला. ही जैवविवीधताय सुवात प्रकल्प सुवातेच्या 5 किमी अंतरात आसा मात प्रकल्पाच्या निरीक्षण क्षेत्राच्या मुळाव्या आनी दुय्यम वाठारातल्या जैवविवीधतायेचेर प्रकल्पाच्या परिणामाचे मुल्यांकन केल्ले दिश्टी पडना. ताका लागून आमी हाची नोंद करुन दितात आनी तुमच्या नदरेक हाडुन दितात जाका लागुन तुमी त्याप्रमाण सक्षम निर्णय घेवपाक शकतले:	EIA अहवालात आनी हेर वैधानीक सादरीकरणात हाचो स्पश्टपणान उल्लेख आसा की प्रस्ताव हो सद्याच्या ऑपरेशनच्या आधुनिकीकरणाचो आसा जो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन आसा. धक्को /सागरी वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
a.	ही चिखली खाडी संवेदनशील उत्पत्ती सुवात आसा आनी गंभीर धोक्याची प्रजाती mollusk, जाका "मॅंडिओस" हया थळाव्या नावान वळखतात, सामान्यपणान "वींडोपॅन ऑयस्टर" म्हणतात आनी विज्ञानीक नाव Placuna Placenta (Linne) आसा ताची प्रजनन सुवात आसा. हाचो धोक्याचो संवर्धन दर्जो पळयल्यार हे प्रजातींच्या वाडिल्ल्या अशाश्वत वाणिज्यीक मोलाक लागून, MoEF, GOI, न Placuna Placenta (Linne), दुरुस्ती केल्ल्या वन्यजीव राखण कायदो, 1972 च्या परिशीश्ट IV खाला आस्पावीत केल्यात.	उपकार करुन 1(viii) क दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
b.	हया उदका स्रोताचेर हिंद महासागराचो प्रभाव आसा आनी झुवारी न्हंयेतल्या उदकाक लागून हेर वेगवेगळ्या समुद्री जींवांच्या प्रजननाक मजत जाता आनी ताच्या विस्तीर्ण वाठारातल्या चीपांच्या झाडांक तेंको मेळता. Clams (तीस-यो), Oysters (कालवां), कुल्ल्यो आनी शींदाणे हांगा भरपुर प्रमाणात मेळतात आनी थळावे गांवकार आपली उपजिवीका म्हण शाश्वत तरेन व्हडा प्रमाणात त्यो काडतात. हया न्हयेच्या पात्रातलो गाळ कितलीशीच पीळग्यो तरेकवार शींपयांच्या नुस्त्या खातीर संपन्न प्रजनन सुवात आसा आनी मर्यादित लोकांक शाश्वत उपजिवीकेचो पर्याय दिता.	उपकार करुन 1(viii) क दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
c.	गोंय सरकाराच्या विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी पर्यावरण खात्यान हया वाठाराचो NIO हया CSIR प्रयोगशाळेवरवी अभ्यस सुरु केला.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
d.	हया उदका स्रोताचे तपशिलवार सर्वेक्षण करुन, NIO न फेब्रुवारी 2010 तल्या आपल्या अहवालात चिखली खाडिचो खासा संदर्भ दिवन अशे निरिक्षण दिले की, झुवारी न्हयच्या तोंडांची समुद्री जैवविवीधताय, समुद्री जैवविवीधतायेत संपन्न आसा, थंय 200 वयर प्रकाराचे प्राणी आनी सूक्ष्म झाडांच्यो (phytoplankton) 34 प्रजाती तशेच चीपां आनी macrophytes आदी आसात. निरीक्षणाचो परिणाम अशेय सूचीत करता की चिखली खाडीतली परिस्थीती *Placuna Placenta* (वींडो पॅन ऑयस्टर्स) ची वसती, वाड आनी प्रजननाक उत्कृश्ट आसा. NIO अहवालात फुडे अशी सुचोवणी केल्या की हया वाठाराची राखण करुंक जाय आनी योग्य रितीन ताचे वेवस्थापन करुंक जाय.	उपकार करुन 1(viii) क दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
e.	थळाव्या गावकारांनी स्वताच जावन स्वेच्छेन नामनेचे सागरी प्राणीशास्त्रज्ञ दो. मनोज आर. बोरकार, हांच्या वरवी चिखली खाडीचे समुद्री सर्वेक्षण केले. सर्वेक्षण अहवालात अशे सामकारा आयले की, चिखले गांवच्या किना-या वांगडा, हो वाठार दोन धांपण्यांच्या शींपल्या खातीर आदर्श सुवात आसा. तांच्या	उपकार करुन 1(viii) क दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

	निरीक्षणात फुडे अशे दिसून आयला की सापल सयत, वारेग जुवो आनी फोडियेम मजगतीचो सागरी बेंन्थीक क्षेत्र लेगीत कालवां ह्या वन्य जीव राखण कायदो 1972 च्या तजवीजां खाला Bivalve Mollusc च्या अनुसूचित IV प्रजातीं खातीर संपन्न सुवात आनी प्रजनन वाठार आसा.	
f.	गोंय राज्य जैव विवीधताय मंडळान सांकवाळे खाडीच्या जमनीच्या वचेन चार सुवातांचेर फलक लायल्यात, जांतुत तो वाठार पर्यावरणीय नदरेन नाजुक सागरी सुवात म्हणू घोशीत केला.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
g.	पुण्यातल्या राष्ट्रीय हरीत लवादान आव्हान याचिका क्र 10/2016 त दिल्ल्या निर्देशा उपरांत गोंय किनारी वाठार वेवस्थापन प्रधीकरणान (GCZMA), "एमपीटीत केप सायझ जहाजां खातीर प्रवेश कालवो खोल करपाचेर" अभ्यास करुंक एक तज्ञ समिती नियुक्त केल्या. ते तज्ञ समितीन एमपीटीच्या डिपनींग प्रकल्पाच्या "ड्रेजींग वावराक लागून जावपी पर्यावरणीय दर्जो आनी परिणाम" हो आपलो अहवाल सादर केलो. ह्या अहवालात, वास्को खाडी सयत कांय वाठाराची झीज जावपाच्या धोक्या सयत ह्या ड्रेजींगाक लागून जावपी वेगवेगळ्या मुद्द्याचेर गंभीर भंय उक्तायला. किना-याची झीज आनी /वा ड्रेजींग आनी किना-याची झीज जावपा मदलो संबंध ह्या मुद्द्याचे निराकरण करुंक वेगळो भू तंत्रीक अभ्यास करपाची मागणी तांतूत केल्या. वयर नमुद केल्ले मतीत घेवन, चिखली ग्राम कृती समिती फुडे अशी मागणी करता की, हे विशय समजुवपाक सक्षम अश्या भोव-विशयक मंडळा वांगडा परिणामांचे पुनर्मुल्यांकन करचे. जो वेळ मेरेन विज्ञानीक अभ्यास जायना, तो मेरेन भारतीय सर्वोच्च न्यायालयाचो सिद्धांत लागू करुन प्रस्तावीत प्रकल्प स्थगीत दवरचो.	आधुनिकीकरण आनी परिणाम स्वरुप क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
2. **विनायक विश्वनाथ साठे, दाबोळी**		
i.	कोळसो उद्देगांत आशिल्ल्यांचे एकमत आसा की, कडक नेम आसूनय, उर्जा बाजारांत कोळसो हो गरजेचो गडो आसतलो, नव्या वैधानीक स्थीतीत कसो वावर करप आनी तरीय वेवसाय चालू कसो दवरप हे पळोवपाचो विशय आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	युरोपात EPAS उक्त्या साठ्यातल्यान व्हावपी उदक आनी वा-यान फाफसोवपी धुल्ल हांचे विशी खासा करुन हुस्को करतात, म्हणुनच ते कोळसो धांपुन दवरतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	आयात वाडली तशी MPT अदीक आनी अदीक कोळसो हाताळतलो. आनी व्हडले स्टील आनी उर्जा प्रकल्प आशिल्ल्या अंतर्गत वाठारात रेल्वे जोडणी आशिल्ल्या कारणान आयातीत महत्वाचो वाटो आसतलो. ही परिस्थीती युरो - बंदराक समान आसा. कोळसो हाताळणीवेलो लेख म्हणता: • एम्स्टरडेम शाराच्या शेजराक आशिल्ल्यान आनी हालीच्या परवानग्यांक लागून आमी कडक पर्यावरणीय नेमां खाला काम करतात. • हवेची दिशा आनी गती मतीत घेवन, आमच्या टर्मीनला भोवतणी घटक आसात जे हवेत	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.

	साठीलली बारीक धुल्ल मेजता, जाल्यार सॉफ्टवेयर खासा करुन साचिल्ल्या धुल्लाचे चित्रण करुंक आनी टर्मीनल क्षेत्रातल्या अतिरीक्ता खातीर तयार केला. • टर्मीनलांचेर कीमान धुल्ल तयार जावचो म्हण रियटलॅन्डन घेतील्ल्या कार्यवाही उपायात, मशिनरीची मर्यादित गती, बंद ग्रब्स, हॉपर्स आनी कन्वेयर्स वा बेल्टांचेर फवारणी यंत्रणा आनी टर्मीनलाचेर सेगीत उदकाची फवारणी करप हांचो आस्पाव आसा.	
iv.	नागपुरचे तेन्नाचे संचालक डॉ दवे हांच्या वांगडा हाव स्वीडनाक गेल्लो आनी स्वीडीश ईपीए अधीका-यां वांगड्या विशयाचेर भासाभास केल्ली. वीशयाचेर स्वीडीश अधिका-यांनी केल्ल्यो शिफारसी ते सांगतात. a. उदरगत जावपी वातावरणात, ग्रीनफिल्ड क्षेत्रात उद्देग/वावर सुरु करपी पयल्या युनीटाक फायदे आसतात. थळाव्या प्रधिकरणान घालुन दिल्ले नेम पुराय करुंक ते आपल्या नियंत्रण यंत्रणेचे मापन करुंक शकतात. मात, मागीर स्थापन केल्ल्या युनीटांक ताचे लुकसाण जाता. b. हाका लागून सुरवाते सावनच कडक मार्गदर्शक तत्वां लागू करप गरजेचे आसा. सुविधांचो विस्तार जाता आनी नव्यो सुविधा स्थापन जातात, ताका लागून वातावरणात भायर पडपी कणांच्या तत्वांत वाड जाता. सगल्या युनीटांतल्यान जावपी सगल्या प्रदुशणाचे समाज आनी सरकारान नियंत्रण करपाची गरज आसा. हवेतल्या बारीक धुल्लाचो साठो मेजपा खातीर, प्रत्येक घटकांच्या सरभोवतणी देखरेख घटक स्थापीत करुनच फक्त हे करुंक शकतात. ही निरीक्षणां मतीत घेवची आनी EPA मानकां 24/7 तत्वाचेर पुराय करपाचे विचार करपाची सुचोवणी तांणी दिल्ली.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
3. विनायक विश्वनाथ साठे. दाबोळी		
i.	पर्यावरणांची राखण करुंक सकयल दिल्ले शमन उपाय गरजेचे आसात; • कोळसो, खनीज सारख्या धुल्लाच्या म्हालाचो धांपुन साठो करचो. • धुल्ल दमना खातीर फावो तीतले उदक उपलब्ध करचे, ताचेर प्रक्रिया करची आनी ताचो पुनर्वापर करचो. • जहाजाचेर लोडींग आनी अनलोडिंग मशिनरीचेर धुल्ल एकठाय करपी यंत्रणा आसची. • बंदरावेली अतिरीक्त येरादारी हाताळपाक, रेल्वेचे दुपदरीकरण आनी बायणा वरुणापुरी बाय पास रस्तो पुर्व-आवश्यकताय. • झुवारी न्हंयेतल्यान, न्हंय, रेल्वे रस्तो टर्मीनला कडेन/कडल्यान बार्जीनी म्हालाची हालचाल बंदरावेली गर्दी उणी करुंक मजत करतली. • MPT न सगल्याक कायम देखरेख स्थानकां स्थापन करची आनी गरज पडता तेन्ना चालका कडल्यान सुधारणा वावराची जतनाय घेवची.	• टर्मीनला भीतरलो सगलो बल्क म्हाल सद्या ताडपत्रीन धांपिल्लो आसा. • सद्याच्या कार्यवाहीत अंमलबजावणी केल्या • सद्याच्या कार्यवाहीत अंमलबजावणी केल्या • आमची व्याप्ती आनी नियंत्रणात वावर ना • सद्या रस्तो आनी बार्ज येरादारी जायना, फुडारातय शक्यताय ना. • प्रस्न आमका विचारुंक ना.
4. गॉंयातल्या लोकांकडल्यान (गोवा अगेन्स्ट कोल - 2889 सयां सयत)		

i.	प्रस्नातीत आशिल्ल्या ईआयए अभ्यासात ह्या प्रस्तावीत बंदर विस्तारीकरणा कडेन संबंधित ड्रेजींग, रेल्वे रुळाचे दुपदरिकरण आनी म्हामार्गाचे बांधकाम हांचो आस्पाव आसपाक जाय आशिल्लो. पुराय प्रकल्पाचो एकठाय अभ्यास करुंक ताका अपेस आयला. ह्या बंदर विस्तार प्रकल्पाचेर आमचो आक्षेप आसा कारण: a. भारतीय संविधान आनी खासा करुन 74 व्या दुरुस्तीत खात्री दिल्या त्या प्रमाण फुकट, पुर्व, म्हायतीपूर्ण संमतीच्या आमच्या हक्काचे ही प्रक्रिया उल्लंघन करता. ईआयए अहवालात समाज़ावेल्या धोक्यावेली मुळावी म्हायती तांतुत आस्पावीत नाशिल्ल्यान हे अधोरेखीत जाता. b. दक्षीण अस्तंत रेल्वे आनी रस्त्या वेल्यान रस्तो/रेल्वेन कोळश्याची येरादारी केल्यार लोकांचे विस्थापन जातले, लोकांक भलायकेचे गंभीर धोके निर्माण जातले आनी अस्तंत घाटाच्या नाजुक पर्यावरणाची हानी जातली. c. गोंयचे समुद्र आनी न्हयांत ड्रेजींग आनी कोळश्याची येरादारी केल्यार आमच्या समुद्री पर्यावरणाक आनी नुस्तेकार समुदायाक गंभीर धोको निर्माण जातलो. d. वायु प्रदुशण आनी जल प्रदुशणात विखारी वाड जाल्ल्यान वास्कोतल्या लोकांक भलायकेच्या गंभीर धोक्याक तोंड दिवचे पडतले. e. आमच्या सरकारान पॅरीस 2016 त केल्ल्या बांधिलकीक पाळो दिवन कोळश्याचो वापर उणो करुंक जाय. हवामान बदल परिणामांक लागून हो प्रकल्प जन हिताच्या आड आसा. धक्को 5A आनी 6A चो विस्तार, प्रवेश कालव्याचे ड्रेजींग आनी धक्को 8, 9 आनी बार्ज धक्क्याच्या विस्ताराच्या तीन प्रकल्पा सयत, राज्यात कोळसो हाताळणीत वाड जावपा संबंधानचे सगले प्रस्ताव गोंयचे लोंक हांगा भायरायतात.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआय़ए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या टीओआर क पाळो दिवन ईआयए/ईएमपी अहवाल तयार केला. प्रस्तावीत वाड प्रकल्पात ड्रेजींग, रेल्वे रुळाचे दुपदरीकरण आनी कसल्याच म्हामार्गाच्या रुंदिकरणाचो आस्पाव ना. a. क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण MSIHC नेम, 1989, (दुरुस्ती 2000) प्रमाण कसलोच धोकादायक म्हाल हाताळपाचो प्रस्ताव ना. b. आमी रस्तो येरादारी वरवी म्हाल हाताळनात. म्हाल खाली करुंक रेल्वे येरादारी हो सद्या चालु आशील्लो वावर आसा. ते आमची व्याप्ती आनी नियंत्रणात ना. c. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. d. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. वावराक लागून थळाव्या लोकांचेर परिणाम जावपाचे उदका प्रदुशणाचे स्रोत ना. e. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
5. **एँड. फा. मायकल फेर्नांडिस, पीपल अगेन्स्ट एट्रोसीटी एन्ड इनजस्टीस, चिखली, गोंय.**		
i.	बंदराचो विस्तार करपाचो प्रकल्प तीन वेगवेगळ्या भागात विभागला हे अजाप कशे. अशे करपा फाटल्यान एकूच कारणाची शक्यताय आसूंक शकता आनी ते म्हळ्यार दर एक प्रकल्प ल्हान म्हणून दाखोवप जाका लागून पर्यावरणीय परिणाम उणो दिसतलो. पर्यावरणीय मान्यताय दितना बंदराच्या विस्ताराच्या सगल्या पैलूंचो परिणाम एकठाय मतीत घेवचो.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआय़ए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या टीओआर क पाळो दिवन ईआयए/ईएमपी अहवाल तयार केला.
ii.	सद्या बंदराच्या वावराक लागून जावपी वायु प्रदुशणाच्या परिणामाचे मुल्यांकन करुंक ना. बंदराच्या विस्ताराच्या पर्यावरणीय परिणामाचे मुल्यांकन करच्या आदी हे करुंक जाय. हे करुंक अपेस येवप म्हळ्यार अविज्ञानीक अभ्यास केल्ले वरीच.	हे निरीक्षण बरोबर ना. मुलभूत सरभोवतणच्या दर्जाची पर्यावरणीय आधारभूत स्थीती, प्रकरण 3, विभाग 3.15, पान क्र. 3-17 चेर तपशीलवार वर्णन केला. बांधकाम आनी कार्यरत पांवड्यार वायु दर्ज्याचेर जावपी परिणाम प्रकरण 4, विभाग 4.2.4, पान क्र. 4.4 आनी प्रकरण 4, विभाग 4.3.4, पान क्रमांक 4-14 हांगा क्रमान दिला.

iii.	बंदराचो विस्तार आनी अतिरीक्त कोळसो आनी लोह हाताळणीक लागून उल्लेखनीय प्रमाणात वायु प्रदुशण जातले. हाका लागून जावपी वायु दर्ज्याच्या बदलांचे गुणात्मक मुल्यांकन करपाक अहवालात अपेस आयला.	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ल्या वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. क्षमताय वाड पांवड्यार योग्य APCMs स्थापीत करुन, आमी उत्सर्जन मानकांक पाळो दितले. प्रस्तावीत उत्सर्जन नियंत्रण उपाय प्रकरण 4, परिणामांचे मुल्यांकन आनी शमन उपाय, विभाग 4.3.4, पान no. 4.14 चेर दिल्यात. प्रस्तावित क्षमताय वाडीक लागुन पर्यावरणाचेर उल्लेखनीय परिणाम जावपाची शक्यताय ना.
iv.	अतिरीक्त कोसळो हाताळणी वा लोह खनीज हाताळणीक लागून अतिरीक्त वीखारी अवजड धातूंचो हवेतल्यान प्रसार जावपाक शकता, जांतुतले कांय कांक्र जनक आसात. ह्या वायु प्रदुशकांचे भलायकेचेर जावपी परिणामांचे मुल्यांकन करपाक धोको मुल्यांकन करपाक जाय. अवजड धातूंचे उत्सर्जन आनी ताका लागून मानवी भलायकेचेर जावपी परिणामांचो उल्लेख अहवालात केल्लो ना.	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. NAAQS, 2009 केंद्रीकरणाचेर उत्सर्जनाचे भलायकेचेर परिणाम जातात हे समा न्हय.
v.	बंदर विस्ताराक लागून जावपी अतिरीक्त वायु प्रदूशण भाराचो, खासा करुन ओझोनाचो वनस्पती आनी पीकांचेर उल्लेखनीय परिणाम जातलो. हाचे दर्ज्यात्मक मुल्यांकन करुंक ना.	प्रकल्पातल्यान ट्रोपोस्फेरीक ओझोनाचे मुळावे वा दुय्यम स्रोत ना
vi.	बंदर विस्ताराक लागून जावपी अतिरीक्त वायु प्रदूशण भाराचो, खासा करुन आम्ल वायु SO2 आनी NO2, चो स्मारकांक कळंब लागून परिणाम जातलो. पोन्ने गोंय हे संसारीक दायज सुवात. हवेतल्या अतिरीक्त आम्ल वायुचो पोन्ने गोंय आनी हेर बांधकामांचेर परिणामांचे मुल्यांकन करपाक आयिल्ले अपेस हे फंटींगपण आसा.	SO_2 आनी NOx सारख्या इंधनाचेर आधारीत प्रदुशकांची[2] बींदु स्रोतां ना. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ल्या वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. प्रकल्पातल्यान SO_2 आनी NOx चे अतिरीक्त योगदान आसचे ना.
vii.	अहवालात अशे नमुद केला की, ड्रेजींगाक लागून बंदर उदकात अतिरीक्त गढुळताय जातली आनी हाचो परिणाम बंदरातल्या उदकातल्या जल पर्यावरणाचेर जातलो कारण हांतुतलो कांय म्हाल तात्पुरते उत्सर्जन म्हण बंदरातल्या उदकांत वतलो. उदकांत जावपी अश्या उत्सर्जनाच्या परिणामांचे योग्य मुल्यांकन करुंक ना. अहवाल सामकोच उण्या विज्ञानीक दर्ज्याचो आसा आनी तांतुत दाखयला त्या परस अदीक लिपयला. हो अहवाल न्हयकारुंक जाय आनी ताच्या लेखकांक काळे वळेरेत घालुन तांचेर दंड घालुंक जाय. म्हणुन प्रकल्पाच्या प्रस्तावकान नवो अहवाल तयाक करुंक जाय.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
viii.	प्रकल्पाचे प्रस्तावक M/s. SWPL हांणी सादर केल्ल्या ईआयए अहवालात सुचयला त्या प्रमाण धक्को 5A आनी 6A वेली प्रस्तावीत टर्मीनल क्षमताय वाड पर्यावरणीय नदरेन सादो वावर न्हय अशे आमचे म्हण्णे आसा, खरे म्हळ्यार ईआयए अहवाल होच MoEFCC, GoI न जारी केल्ल्या ToR कडल्यान पुरायपणान वेगळो आसा आनी EIA 2006 च्या व्याप्तीच्या अनुरुप ना.	प्रस्न नेमको ना.

[2] DG सेट वगळुन. जे अतिरीक्त आसात आनी केन्ना केन्नाय वापरतात.

a.	बंदर आनी हार्बराचेर MoEFCC न घाल्ल्या मार्गदर्शक तत्वां कडल्यान विचलीत जाल्ल्या कारणाक लागुन, सुरवातीकच, "M/S. SWPL वरवी MPT च्या धक्को 5A आनी 6A चेर प्रस्तावीत टर्मीनल क्षमताय वाडीवेलो ईआयए मसुदो न्हयकारपाक जाय.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
b.	सद्याच्या बंदराचे विस्तारीकरण आनी किनारी क्षेत्रात नवे प्रकल्प सुरु करपा संबंधान, पर्यावरण आनी रानां मंत्रालयाच्या (IA-III विभाग) ऑफीस मेमोरेन्डमात घालुन दिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवंक नाशिल्ल्यान दुस-या कारणाक लागुन तो न्हयकारला.	प्रस्न नेमको ना.
c.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या कॉलम 9 (III) त नमुद केल्ल्या प्रमाण पर्यावरणीय नदरेन संवेदनशील वाठारावेली म्हायती दिवुंक नाशिल्ल्यान फुडे तो न्हयकारला. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या कॉलम 9 (III) त नमुद केल्ल्या प्रमाण पर्यावरणीय नदरेन संवेदनशील वाठाराच्या तपशीलाची नोंद करपाक आमी ही संद घेतात.	पर्यावरणीय नदरेन संवेदनशील प्रजातींचो योग्य उल्लेख ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.9, पान क्र. 3-61 दिला. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले.
d.	आमचो असो दावो आसा की प्रस्तावीत सुवातीच्या 15 किमी परीघा भीतरल्या पर्यावरणाची ह्या प्रकरणातलो ईआयए अपुरी रुपरेशा आसा आनी खुपशी महत्वाची पर्यावरणीय वेवस्था आनी तांच्या जैवविवीधतायेच्या देण्यांचेर एक तर पुरायपणान दुर्लक्ष केला वा ताचे उणे प्रतिनीधित्व केला.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
e.	हवा आनी आवाज /कंपनांचो देखरेख करपा खातीरच्यो नमुनो सुवातो प्रस्तावीत ऑपरेशन्स/वावरच्या संभाव्य परिणामाच्या वाठाराकडेन सुसंगत ना.	प्रस्न नेमको ना.
f.	ईआयए अधिसुचोवणी आनी बंदर आनी हार्बरावेल्या MoEF नेमावलींतल्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण हवा नमुनो वावर करुंक ना.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात केलां.
g.	मध्यवर्ती क्षेत्रातल्या जमनीवेल्या जैवविवीधतायेचेर पुरायपणान दुर्लक्ष केला आनी फक्त समुद्री पर्यावरणातल्या समुद्री (उदकाचेर उफेंवपी वस्तु) आनी बेन्थीक (समुद्री तळ) जीवांचेर लक्ष केंद्रीत केलां. ईआयए अहवालात न्हंयेच्या दॅगेवेल्या प्रजातींचो उल्लेख करुंक ना.	गोंय सरकाराच्या रानां अहवालाचेर आधारीत भू जैवविवीधताय अभ्यास प्रकरण 3, विभाग 3.18, पान क्र 3-63 त दिला. सागरी पर्यावरण, बेन्थीक आनी समुद्री जीव प्रकरण 3, विभाग 3.17, पान क्र. 3-28 त तपशीलवार दिला.
h.	ड्रेजींगाचे सुस्पश्ट धोको ईआयएत मान्य केल्यात मात बेन्थीक जीवाणूंची रोखडीच परतुन वसाहत जाता अशे चित्रीत केलां. हे खुपच अविज्ञानीक आनी फटींग आसा. बेन्थोस हे समुद्रातले नाजूक क्षेत्र आनी ड्रेजींग वा जहाजाच्या हालचालींक लागुन जलगतीशीलता जावन एक फावट तांका व्यत्यय आयलो जाल्यार ते जीवाशास्त्रीय जिवाणू विरोधी जांवपाक शकतात. ड्रेजींग "बेन्थो- समुद्री युग्मनात" हस्तक्षेप करुंक शकता, हाका लागुन ह्या उदकांतल्या जीवाणुंच्या मुळाव्या उत्पादन क्षमतायेक मार बसपाक शकता.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.

i.	चिखली खाडी जी कावळ्याच्या उडपाच्या 5 किमी अंतराच्या उक्त्या सुवातेत आसा, ती समुद्री जिवांच्या वसाहतीं खातीर असामान्य आसा, जांतुतल्या कांयचे संसारीक वितरण मर्यादीत आसा आनी मोलादिक सांबाळ दर्जो आसा. रानांजीव राखण कायदो 1972 प्रमाण अनुसूचीत प्रजाती वींडोपॅन ऑयस्टरांचे हांगा प्रजनन जाता आनी हे क्षेत्र जैवविवीधताय राखण क्षेत्र म्हण जाहीर करचे म्हण CVAC न राज्य आनी केंद्रीय अधिकारणीक याचिका सादर केल्या. खाडीच्या NIO न केल्ल्या अभ्यासात CVAC चो मुद्दो उखलुन धरला की हो वाठार हया आदीच प्रदुशकांच्या ताणा खाला आसा आनी खाडीच्या सरभोवतणी उद्देगीक वावराक मान्यताय दिवची न्हय.	ईआयए अहवाल आनी तांच्या वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
j.	चिखली किनारी वाठारात चीपांची झाडां आसात आनी म्हणुन CRZ परिणामांच्या उजवाडांत तांचे परिक्षण जावचे पडतले.	ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
k.	बायणा किनारी वाठाराच्या विरुद्ध आशिल्ले 2 जुवें (ग्रेन्ड आनी पिकेनो जुवे) मेगा-चिरोप्टेरन वाघुळ *Pteropus giganteus* खातीर फाटली कितलीशीच दशकां वेगळो आवास आनी वसाहत आसा. तांचो संवर्धन हुस्को उणे करपाचो कसलोय यत्न EIA 2006, WPA 1972, BDR, 2002 हांचे खर उल्लंघन केल्ले वरीच जातले.	ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
l.	ग्रेन्ड जुव्याच्या सरभोवतणी प्रवाळी सापडल्यात, ताची नोंद ईआयए अहवालात आसा. प्रवाळांच्या सोदाच्या बातम्यांचो अहवाल हया अहवाला वांगडा जोडला.	हालीच ग्रेन्ड जुव्याचेर प्रवाळी सापडल्या ही वस्तूस्थीती ईआयए अहलात प्रकरण 3: पर्यावरणीय मुलभूत स्थीती, विभाग 3.17.10, पान क्र. 3-61 चेर नमुद केला. मात ग्रेन्ड जुवो हो प्रस्तावीत प्रकल्पा कडल्यान समुद्री अंतराचेर सुमार 10 किमी पयस आसा. कसल्याच प्रकारचे उल्लेखनीय विपरीत परिणाम जावपाक तो प्रस्तावीत प्रकल्प सुवाते कडल्यान खुप पयस आसा.
m.	GCZMA न तज्ञ समिती नियुक्त केल्या, जांच्या अहवालात ड्रेजींगाक लागुन जावपी वेगवेगळ्या मुद्दयाचेंर गंभीर हुस्को उक्तायला, हांतुत वास्को खाडी सयत थारावीक वाठाराची झीज जावपाचो धोको उक्तायला. किनारी झीज आनी /वा ड्रेजींग आनी किनारी झीजे मदली जोडणी हया मुद्दयाचेर वेगळो भू तंत्रीक अभ्यास करपाची मागणी तांतुत केल्या.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
n.	ईआयए अहवालात निरीक्षण क्षेत्रातल्या लोकसंख्येचो चुकीचो आकडो दिला. समा आकडो वेगळो दिला.	निरीक्षण बरोबर ना. प्रकल्प क्षेत्रातले लोकसंख्येचे चित्र जनगणना अहवाल 2011 चेर आधारुन आसा. हया प्रकरणात सादर केल्ली म्हायती ही मुखेलपणान मुळावो जनगणना गोशावरो. 2011 हातुतल्यान घेतल्या.
o.	आपत्ती वेवस्थापन आराखड्यात बंदराच्या सरभोवतणच्या लोकसंख्येच्या स्थलांतरणा वीशी कांयच नमुद करुंक ना. बंदराक तेंकुन पेट्रोल आनी एसीडाच्यो टाकयो आसात.	क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण MSIHC नेम, 1989 (दुरुस्ती, 2000) प्रमाण धोकादायक म्हाल हाताळपाचो प्रस्ताव ना. सुवाते भायल्यो घडणुको (SWPL वाठाराच्या शीम मर्यादेच्या भायर परिणाम जावपी) सद्याच्या आनी प्रस्तावीत वावरात जावपाची शक्यताय ना.
p.	वायु प्रदुशण विश्लेशण प्रत्यक्ष सोदात उणे पडता. देखरेखीचो काळ MoEF च्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण नियोजीत करुंक ना. वयर दिल्ल्या निवेदनाच्या उजवाडात, PAAI, असो तर्क करता की, भोवशीक वाठारात परिचलीत केल्लो ईआयए प्रकल्प प्रस्तावकांक योग्य जावचे खातीर आनी प्रकल्पाक पर्यावरणीय मान्यताय मेळोवच्या	प्रस्न नेमको ना.

	खातीर तयार केला.	
6. श्री. रुई एम डा कोस्ता आरावजो, चिखली जैवविवीधताय वेवस्थापन समिती, चिखली		
i.	SWPL वरवी "एमपीटीच्या धक्को क्र. 5a आनी 6a च्या प्रस्तावीत टर्मीनल क्षमताय वाडीवेलो ईआयए मसुदो अहवाल न्हयकारुंक जाय कारण MoEFCC न बंदर आनी हार्बराच्या नेमांवीशी घालुन दिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वा कडल्यान तो विचलीत जाला.	प्रस्न नेमको ना.
ii.	सद्याच्या बंदराचे विस्तारीकरण आनी किनारी क्षेत्रात नवे प्रकल्प सुरु करपा संबंधान, पर्यावरण आनी रानां मंत्रालयाच्या (IA-III विभाग) ऑफीस मेमोरेन्डमात घालुन दिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांक हांतुत पाळो दिवंक ना.	प्रस्न नेमको ना.
iii.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या कॉलम 9 (III) त नमुद केल्ल्या प्रमाण पर्यावरणीय नदरेन संवेदनशील वाठारावेली म्हायती हांतुत दिवुंक ना.	पर्यावरणीय नदरेन संवेदनशील प्रजातीं ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.17.9, पान क्र. 3-61 उपरांत योग्य रीतीन नमुद केल्यात. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले.
iv.	प्रस्तावीत सुवातीच्या विहीत 15 किमी परिघा भीतरले पर्यावरण आनी खुपशी महत्वाची पर्यावरणीय यंत्रणा आनी जैवविवीधताये कडेन एक तर दुर्लक्ष केला वा साफ केला वा उणे प्रतिनीधित्व केला.	प्रस्न नेमको ना.
v.	हवा आनी आवाज /कंपनांची देखरेख करपा खातीरच्यो नमुनो सुवातो प्रस्तावीत ऑपरेशन्स/वावरच्या संभाव्य परिणामाच्या वाठाराकडेन सुसंगत ना.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्ज्यात केलां.
vi.	मध्यवर्ती क्षेत्रातल्या जमनीवेल्या जैवविवीधतायेचेर पुरायपणान दुर्लक्ष केला आनी फक्त समुद्री पर्यावरणातल्या समुद्री (उदकाचेर उफेंवपी वस्तु) आनी बेन्थीक (समुद्री तळ) जीवांचेर लक्ष केंद्रीत केलां. ईआयए अहवालात न्हंयेच्या देगेवेल्या प्रजातींचो उल्लेख करुंक ना.	गोंय सरकाराच्या रानां अहवालाचेर आधारीत भूप्रदेशीय जैवविवीधताय, प्रकरण 3, विभाग 3.18, पान क्र. 3-63 चेर दिला. सागरी पर्यावरण, बेन्थीक आनी समुद्री पर्यावरण तपशीलान प्रकरण 3, विभाग 3.17, पान क्र. 3-28 चेर दिला.
vii.	ड्रेजींग "बेन्थो- समुद्री युग्मनात" हस्तक्षेप करुंक शकता, हाका लागुन हया उदकांतल्या जिवाणुंच्या मुळाव्या उत्पादन क्षमतायेक मार बसपाक शकता.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
viii.	चिखली खाडी ही उक्ती सुवात, सागरी जीवाणुं खातीर असामान्य वसाहत आसा. रानांजीव राखण कायदो 1972 प्रमाण अनुसूचीत प्रजाती वींडोपॅन ऑयस्टरांचे हांगा प्रजनन जाता. खाडीच्या NIO न केल्ल्या अभ्यासात CVAC चो मुद्दो उखलुन धरला की हो वाठार हया आदीच प्रदुशकांच्या ताणा खाला आसा आनी खाडीच्या सरभोवतणी उद्देगीक वावराक मान्यताय दिवची न्हय.	ईआयए अहवाल आनी ताच्या वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.

ix.	गोंय जैवविवीधताय मंडळान हो वाठार "पर्यावरणीय नदरेन नाजूक सागरी सुवात" म्हण जाहीर केला, जे ईआयए अहवालात नमुद करुंक ना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवक ना.
x.	चिखली किनारी वाठारात चीपांची झाडां आसात आनी म्हणुन CRZ परिणामांच्या उजवाडांत तांचे परिक्षण जावचे पडतले.	ईआयए अहवाल आनी ताच्या वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
xi.	बायणा किनारी वाठाराच्या विरुद्ध आशिल्ले 2 जुवें (ग्रेन्ड आनी पिकेनो जुवे) वाघुळा खातीर फाटली कितलीशीच दशकां वेगळो आवास आनी वसाहत आसा. तांचे संवर्धन हुस्को उणो करपाचो कसलोय यत्न EIA 2006, WPA 1972, BDR, 2002 हांचे खर उल्लंघन केल्ले वरीच जातले.	ईआयए अहवाल आनी ताच्या वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
xii.	अरबी समुद्राच्या बायणा किना-या लागसारच्या उथळ वाठारात डॉल्फीन सारख्या सस्तन प्राण्यांची हाजेरी आशिल्ल्याचे अहवाल आसात.	संवेदनशील आनी धोक्यात आशिल्ले किनारी जीवीत जशे की प्रवाळीं, डगॉंगस, समुद्री तण, विशीश्ट चीपांची झाडां, आदी हांचेर ईआयए अहवाल, प्रकरण 3: पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.9, पान क्र. 3-61 उपरांत योग्य तरेन भासाभास केल्या.
xiii.	2015 वर्साच्या हालीच्या अहवालात, ग्रेन्ड आनी पिकेनो जुव्या लागसारची प्रवाळीं ईआयए अहवालात ना.	ग्रेन्ड जुव्याचेर हालीच प्रवाळीं सापडल्यात हे सत ईआयए अहवालात, प्रकरण 3: पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.17.10, पान क्र. 3-61 योग्य रितीन नमुद केला. ग्रेन्ड जुवो प्रस्तावीत प्रकल्पा कडल्यान समुद्री अंतरान 10 किमी पयस आसा आनी कसलोय उल्लेखनीय विपरीत परिणाम जावपाक प्रस्तावीत प्रकल्प सुवाते कडल्यान पयस आसा.
xiv.	मुरगाव बंदर विस्ताराच्या पर्यावरणीय परिणामांच्या अहवालांचेर टिप्पणी:	
	a. बंदराचो विस्तार करपाचो प्रकल्प तीन वेगवेगळ्या भागात विभागला हे अजाप कशे. अशे करपा फाटल्यान एकूच कारणाची शक्यताय आसूंक शकता आनी ते म्हळ्यार दर एक प्रकल्प ल्हान म्हणून दाखोवप जाका लागून पर्यावरणीय परिणाम उणो दिसतलो. पर्यावरणीय मान्यताय दितना बंदराच्या विस्ताराच्या सगल्या पैलूंचो परिणाम एकठाय मतीत घेवचो.	उपकार करुन 1(i) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	b. सद्या बंदराच्या वावराक लागून जावपी वायु प्रदुशणाच्या परिणामाचे मुल्यांकन करुंक ना. बंदराच्या विस्ताराच्या पर्यावरणीय परिणामाचे मुल्यांकन करच्या आदी हे करुंक जाय. हे करुंक अपेस येवप म्हळ्यार अविज्ञानीक अभ्यास केल्ले वरीच.	उपकार करुन 1(ii) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	c. बंदराचो विस्तार आनी अतिरीक्त कोळसो आनी लोह हाताळणीक लागून उल्लेखनीय प्रमाणात वायु प्रदुशण जातले. हाका लागून जावपी वायु दर्जाच्या बदलांचे गुणात्मक मुल्यांकन करपाक अहवालात अपेस आयला.	उपकार करुन 1(iii) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	d. अतिरीक्त कोसळो हाताळणी वा लोह खनीज हाताळणीक लागून अतिरीक्त वीखारी अवजड धातूंचो हवेतल्यान प्रसार जावपाक शकता, जातुतले कांय कांक्र जनक आसात. ह्या वायु प्रदुशकांचे भलायकेचेर जावपी परिणामांचे धोको मुल्यांकन करपाक जाय. अवजड धातूंचे उत्सर्जन आनी ताका लागून मानवी भलायकेचेर जावपी परिणामांचो उल्लेख अहवालात केल्लो ना.	उपकार करुन 1(iv) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	e. बंदर विस्ताराक लागून जावपी अतिरीक्त वायु प्रदूशण भाराचो, खासा करुन ओझोनाचो वनस्पती आनी पीकांचेर उल्लेखनीय परिणाम जातलो. हाचे दर्ज्यात्मक मुल्यांकन करुंक ना.	उपकार करुन 1(v) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	f. बंदर विस्ताराक लागून जावपी अतिरीक्त वायु प्रदूशण भाराचो, खासा करुन आम्ल वायु SO2	उपकार करुन 1(vi) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

	आनी NO2, चो स्मारकांक कळंब लागून परिणाम जातलो. पोन्ने गोंय हे संसारीक दायज सुवात. हवेतल्या अतिरीक्त आम्ल वायुचो पोन्ने गोंय आनी हेर बांधकामांचेर परिणामांचे मुल्यांकन करपाक आयिल्ले अपेस हे फंटींगपण आसा.	
	g. ड्रेजींगाक लागून बंदरातल्या उदकांत अतिरीक्त गढुळताय वाडतली आनी ताच्या जलीय पर्यावरणाचेर परिणाम जातलो कारण हांतुतलो कांय म्हाल बंदराच्या उदकातल्या जलीय पर्यावरणाचेर परिणाम करतलो कारण कांय म्हाल क्षणीक उत्सर्जन म्हण बंदरातल्या उदकांत वतलो अशे अहवालात नमुद केला. उदकांत अशे तरेचे उत्सर्जन जाल्यार जावपी परिणामांचे योग्य मुल्यांकन करुंक ना. अहवाल सामकोच उण्या विज्ञानीक दर्ज्याचो आसा आनी तांतुत दाखयला त्या परस अदीक लिपयला. हो अहवाल न्हयकारुंक जाय आनी ताच्या लेखकांक काळे वळेरेत घालुन तांचेर दंड घालुंक जाय.	उपकार करुन 1(vii) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
7. कुस्तोदीओ डिसोझा, वास्को		
i.	SWPL वरवी धक्को क्र. 5A आनी 6A च्या क्षमताय वाडी खातीरच्या ईआयए अहवालाचो मसुदो भोवशीक छाननी खातीर थळाव्या भाशेत उपलब्ध करुन दिंवक ना. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या वेगवेगळ्या विभागा प्रमाण ती गरज आसा.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
ii.	ईआयए अहवालाचो थळावो मसुदो मध्यवर्ती वाचनालय, चिखली पंचायत आनी PCB च्या संकेतस्थळार उपलब्ध ना. तो सांता क्रुज पंचायतीक सादर करुंक ना जी प्रकल्प क्षेत्राच्या 10 किमी परिघात आसा.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
iii.	हे सगले 3 प्रकल्प खरे म्हळ्यार एक आसात, वावराच्या अनुसूचीच्या 7(e) प्रमाण ईआयए अधिसूचोवणी 2006 त EC ची गरज आसा.	हे निरीक्षण ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती) प्रमाण ना.
1. कुस्तोदीओ डिसोझा, वास्को		
i.	20.03.2017 तारखेचे पत्र, विशय: कोळसो (MPT) विस्तार प्रकल्पा खातीर भोवशीक सुनावणी जी आदी 20.03.2017, 24.03.2017 आनी 27.03.2017 तारखेक निश्चित केल्ली - त्या खातीर फावो त्या आकाराची सुवात आनी सप्तकाच्या योग्य दिसा खातीर विनंती.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
2. **एरीक पींटो, आल्तो पर्वरी, गोंय**		
i.	सकयल्या आधारांचेर आक्षेप: a. ड्रेजींगाक लागुन आनी समुद्री तळातल्यान 2.44 दशलक्ष क्युबीक मिटर्स रेंव काडिल्ल्यान किनारी भूंयेची रुपां आनी समुदायाचेर विपरीत परिणाम जातलो. b. कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन श्वसनाची दुयेंसा आनी फुफुसाचें कांक्राचे दुयेंस जाता.	a. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. b. निरीक्षण बरोबर ना.

	c. ट्रक आनी रेल्वेन अंतर्गत भागात कोळश्याची येरादारी करपावीशी ईआयए अहवालात वर्णन ना. d. गोंय हे पर्यटन सुवात म्हण फामाद आसा. हाका लागुन क्रुज टर्मीनलाच्या लागसारच्या वाठारात कोळश्याच्या यार्डाक लागुन पर्यटनाच्या हेताक मार बसतलो. e. भारतात स्वताचे उण्या दर्ज्याचे कोळश्याचे उत्पादन जाता, मात आधुनीक तंत्रज्ञानाक लागुन ताच्यो अशुद्धी काडुन उडोवप आनी प्रदुशण उणे करप, आनी प्रधानमंत्री श्री. मोदी हांच्या "मेक इन इंडीया" घोशणेक पाळो दिवप, हाका लागुन कोळश्याची आयात बंद केल्यार आमची वेपाराची न्हयकारी तुळा उणी जातली आनी आमच्या देशी कोळसो उद्देगाक उर्बा मेळतली.	c. सद्याच्या वावराक म्हालाच्या रस्तो येरादारीचो आस्पाव ना आनी क्षमता वाड जाल्या उपरांतय ती प्रस्तावीत ना. d. MPT च्या धक्को वाटपा प्रमाण दोनीय क्रुज टर्मीनल आनी आमच्या वावराचे सह-अस्तीत्व आसा. e. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
3. **लॉरेड्डा श्रीधरन, आम आदमी पार्टी (आप)**		
i.	सकयल्या आधाराचेर आक्षेप: • आदर्श आचार संहितेच्या उल्लंघनाची कागाळ • पक्षाचे फुडारी सुमार दसका वयर धुल्लाच्या प्रदुशणा आड आदोंलन करुंक सदाच फुडे आसात. • MPT ऑफिसर्स क्लबात भोवशीक सुनावणी घेवपा वीशी थळाव्या खबरापत्रात छापुन हाडील्ले मात त्या खातीर भारतीय वेचणुक आयोगाची मान्यताय घेवुंक नाशिल्ली, जी सक्तीची आवश्यकताय आसा. • मतदारांक रोजगार आनी सामाजिक अर्थीक लावाचे उतर दिवन तांका हायस दाखोवपाचो यत्न करुन MPT न भाजपाच्या मजतीन तीन प्रकल्पांच्या बांधकामाची प्रभावीपणान घोशणा केली आनी उतर दिले, जांतुत भोवशीक नीधीच्या व्हडा प्रमाणातल्या गुंतवणुकीचो आस्पाव आसा आनी ते आजुन मेरेन लोकांक खबर नाशिल्ले. • ह्या प्रकल्पांत ताकतीक ना आनी वेचणुक प्रक्रिये उपरांत सुनावणी घेतल्यार सर्ग सकयल पडचो ना. • पर्यावरणीय भोवशीक सुनावणी वेचणुक प्रक्रिये वेळार थारावप हो उणे लोक वाटेकार जावचे ह्या खातीर मुद्दाम केल्लो यत्न आसा. • वेचणुक प्रक्रिया पुराय जांय मेरेन भोवशीक सुनावणी फुडे धुकलची.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
11. दक्षीण गोंयचे जिल्लोधिकारी आनी जिल्लो न्यायदंडाधिका-यांचे कार्यालय.		
	दक्षीण गोंयचे जिल्लो न्यायदंडाधिकारी श्री स्वप्नील नायक हांणी 16.03.2017 तारखेक GSPCB क पत्र बरोवन सुवातींत बदल ना करपावीशी कळयला.	NA
12. दक्षीण गोंयचे जिल्लोधिकारी आनी जिल्लो न्यायदंडाधिका-यांचे कार्यालय.		

	दक्षीण गोंयचे जिल्लो न्यायदंडाधिकारी श्री स्वप्नील नायक हांणी 16.03.2017 तारखेक GSPCB क पत्र बरोवन, कळयला की श्री विनायक व्ही. साठे हांणी भोवशीक सुनावणेचे मुद्दे आनी ती फुडे धुकलपावीशी पत्रात बरयला, जाल्यार श्री विनायक हांचे कडल्यान कांयच प्रतिसाद मेळुंक ना.	NA
13. श्री सावीयो जे. एफ. कोरीया, वास्को दा गामा		
i.	सकयल दिल्ल्या मुद्यांवीशी GSPCB धाडिल्ले 25.01.2017 तारखेचे पत्र: • पर्यावरणीय भोवशीक सुनावणी 12.03.2017 तारखे उपरांत परतुन थारावची आनी सुवात बदलची. • MPT ऑफिसर्स क्लब हॅडलँड सड्यार आसा, हाका लागुन कुडका, बांबोळी वाठारातल्यान येवपी लोकांक ते त्रासाचे जातले. • भोवशीक सुनावणी वास्को शारांत खंयसरय घेवची. • ती तालुका मुख्यालयात घेवची. • प्रकल्प पुरस्कर्त्यांच्या मालकीचे सुवातेर वातावरण बिघडपाक शकता आनी मुक्त आनी प्रामाणीक सुनावणी खातीर अनुकुल ना. • भोवशीक सुनावणी शेनवार वा आयतारा घेवपाची मागणी करता. • लोकांचो उणो सहभाग आसतलो हाची जतनाय घेवच्या खातीर भोवशीक सुनावणी मुद्दाम जावन गैरसोयेची तारीख आनी सुवातेर दवरल्या अशे परतुन सांगता. • GSPCB क गंभीर भोवशीक सल्लोमसलत करच्या बदला फक्त सुनावणी घेवपाची औपचारीकता पुराय करपाक रस आसा अशे दिसता. • तीनांतली दर एक भोवशीक सुनावणी एका म्हयन्याच्या फरकान दवरची जाका लागुन लोक हांतुत गंभीरपणान वांटेकार जावपाक शकतले.	NA
14. श्री. कुस्दोतीओ डी सोझा, ओल्ड क्रॉस नुस्तेमारी बोट धनी सहकारी सोसायटी ली., वास्को, गोंय.		
i.	03.03.2017 तारखेचे, GSPCB क धाडिल्ले सकयली म्हायती दिवपी पत्र: • व्हडले सुवातेर स्थलांतर करपाची मागणी, शक्यतो वास्कोतले टिळक मैदान. • कारण सुनावणेक हाजोर रावपाक मार बशिल्ल्या लोकांच्या अपेक्षीत आकड्या खातीर प्रस्तावीत सुवात पुरायपणान अपुरी आसा.	NA
15. आल्कान्द गुरजाव, बायणा रापोणकार आनी नुस्तेमारी बोट धनी सोसायटी गोंय.		
i.	03.03.2017 तारखेचे, GSPCB क धाडिल्ले सकयली म्हायती दिवपी पत्र: • व्हडले सुवातेर स्थलांतर करपाची मागणी, शक्यतो वास्कोतले टिळक मैदान.	NA

	• कारण सुनावणेक हाजीर रावपाक मार बशिल्ल्या लोकांच्या अपेक्षीत आकड्या खातीर प्रस्तावीत सुवात पुरायपणान अपुरी आसा.	
16. श्री. गाब्रीयेल डिक्रुज		
i.	बंदराचो विस्तार आनी ड्रेजींगाक लागुन सकयली म्हायती दिवपी GSPCB क बरयिल्ले पत्र: • पर्यावरणीय धोके. • हंप बॅक डॉल्फीन्स, ओर्कास, पांखा नासिल्लो ल्हान आकाराचे व्हेल नुस्ते आनी किलर व्हेल्स हांका लुकसाण करपी सामको थेट आनी उण्या काळाचो भंय. • ड्रेजींगाक लागुन उदका पोंदा आवाज जाता जाचो हंप बॅक डॉल्फीन्स, ओर्कास, पांखा नाशिल्ले ल्हान आकाराचे व्हेल नुस्ते आनी किलर व्हेल्स हांच्या अन्न सोद आनी सामाजिक जिणेचेर गंभीर परिणाम जाता.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
17. वास्को आनी मुरगावचे गरीब आनी वंचित निवासी 211 सयां सयत.		
i.	कोळश्याक लागुन जावपी भलायकेच्या समस्येक लागुन आमका जगप कठिण करता कारण आमी व्हडली वैजकी बीलां फारीक करपाक शकनात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	MPT च्या प्रकल्पांक वाट करुन दिवच्या खातीर आमची घरां मोडली. बायणा, देस्तेरो आना खारीवाडो हे ते वाठार आसात ज्या वाठारातल्यान MPT आमका काडपाक सोदता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	वेगवेगळे ईआयए अहवाल आशिल्ले तीन प्रकल्प खरे म्हळ्यार एकाच प्रकल्पाचो वाटो आसात, म्हणुन ते एकामेकां बगर कार्यरत जावपाक शकनात. ईआयए अभ्यास पुरायपणान फटींग आसा आनी ToR सामकेच चूकीचे आसात.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
20. भोवशीक सुनावणेचे कांय तिडकल्ले उपस्थीत, 29 सयां सयत.		
i.	PH वेळार हाजीर आशिल्ल्या लोकांक सुनावणेत वाटेंकार जावपाची संद न्हयकारल्या.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	3 प्रकल्पां खातीर एकूच PH घेवपाचो विचार करचो अशे MoEF न GSPCB क सांगिल्ले, मात GSPCB न 7 दिसांत 3 वेगवेगळ्यो सुनावणी घेतल्यो.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	हाजेरी पत्रकांचे वितरण करुंक ना, हाका लागुन व्हडा प्रमाणातले उपस्थीत सयो करुंक शकले ना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
21. श्री. परशुराम सोनुर्लेकर, मुरगांव, 4 सयां सयत.		

i.	वास्को शार आनी लागसारचो वाठार कोळसो प्रदुशणान पिडीत आसा. वास्कोकारांक कोळसो समस्या ही जीवन मरणाची समस्या जाल्या आनी ताचो भलायकी आनी जीवीताच्या दर्ज्याक गंभीरपणान मार बसता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	बंदर वाठारात पडुन आशिल्लो कोळसो धांपुन दवरपाक उपाय करुंक ना आनी अदिकारी म्हणतात की कोळसो धांपप हे प्रत्यक्षात अशक्य आसा.	निरीक्षण समा ना. साठो करतना वा सुधारणा करतना सोडुन हेर वेळार सदाच कोळसो साठो यार्ड ताडपत्रीन धापिल्लो आसता, क्षणीक उत्सर्जनाक आळो हाडपाक ताचेर सेगीत आनी पुरायपणान उदकाची फवारणी/फॉगींग जाता.
iii.	पर्यावरणीय प्रदुशणाचे परिणाम हे बरेच खबर आसात कारण GSPCB न Adani, SWPL आनी MPT क लेगीत कितल्योश्योच नोटीसी जारी केल्यात. मात कितल्योश्योच नोटीसी जारी करुन लेगीत प्रदुशण नियंत्रणात हाडपाक आनी बंद करपाक तांका अपेस आयला, आयच्या तारखे मेरेन कोळसो प्रदुशण दिसान दिस वाडत आसा आनी प्रस्तावीत वाड लाखांनी नागरीकांच्या जिवीताची नाशाडी करतले. कोळश्याचे प्रदुशण हे ल्हव जाता आनी ताचे मनश्याच्या जिवीताचेर जावपी परिणामांचे मुल्यांकन करुंक जाय कारण पयसुल्ल्या काळात ते परिणाम करतले.	GSPCB न निर्देश दिल्ल्या प्रमाण SWPL उपाय करता आनी प्रक्रिया आनी वेळेची मर्यादा दिल्या त्या प्रमाण प्रकरण वेळार आनी विज्ञानीक पद्धतीन सोडयता. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.
22. मुरगाव युवा ट्रस्ट, वास्को.		
i.	MPT त फुडल्या कोळसो वेपाराच्या विस्ताराचो खर निशेध आनी विरोध करतात, कारण कोळसो प्रदुशण ह्या आदीच निमाण्या पांवड्यार पावला आनी आमच्या पर्यावरणाचो -हास केला. ज्या तरेन अदानी आनी हेर कोळसो हाताळणी कंपनी MPT त कोळसो हाताळतात ते पुरायपणान कसल्याच प्रतिबंधात्मक उपाया बगर आसा.	प्रस्न विशिश्ट ना. कोळसो धुल्लाचे उत्सर्जन जावचे न्हय ह्या खातीर SWPL फावो तीतले आनी गरजेचे उपाय घेता.
ii.	तुतीकोरन बंदर जंय फक्त कोळसो हाताळतात, थंय व्हडा प्रमाणात प्रदुशण जाता म्हण ह्या धुल्लाच्या कोळश्याक न्हयकारला. ते ह्या MPT बंदरात हाडला, मात हाचो थळ्याव्यांच्या भलायकेचेर किते परिणाम जातले आनी हाका लागुन पर्यावरणाचो -हास जातलो हे मतीत घेवंक ना. आमचे अशे मत आसा की भलायकी आनी सुरक्षीत पर्यावरणा खातीर MPT तलो धुल्लाचो कोळसो वेपार पुरायपणान बंद करुंक जाय.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
23. मॅगी सिल्वेरा, भारत मुक्ती मोर्चा, दिवाडी, गोंय. **24. सेबेस्तीयन रॉड्रीग्स, झुवारीनगर, गोंय**		
i.	MPT चे धक्के कर्नाटकातल्या JSW उर्जा कंपनी खातीर कोळसो आयात करुंक वापरतले. गोंयाक हाचे लुकसाण जावपाक जायना. गोंय कोळश्याचे कॉरीडॉयर करुंक आमी विरोध करतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	ईआयए निरीक्षण व्यापक आसपाक जांय, विघटीत न्हय. विघटीत प्रभाव मुल्यांकन हे भ्रामक आनी	प्रस्न नेमको ना.

	दीशाभूल करपी आसा.	
iii.	कालवो खोल करपा खातीर केल्ल्या ड्रेजींगाक लागुन हया आदीच जैवविवीधताय नश्ट केल्या. MPT क ड्रेजींग करपाक परवानगी दिवपाक जायना.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
iv.	प्रवेश कालवो खोल करपाचेर प्रकल्प निंबुन आसा. जेन्ना प्रकल्प एकामेकांचेर निंबुन आसात जाल्यार भोवशीक सुनावणी वेगवेगळी कित्याक निश्चीत केल्या.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
v.	"अतिरीक्त जमीन आनी बंदराचो आस्पाव ना" हे भ्रामक आसा कारण MPT वरवी बंदराचे ड्रेजींग करपाचेर हो प्रकल्प निंबुन आसा आनी ताचे तांच्या जोड परिणामांचेर भासाभास करुंक ना.	निरीक्षण योग्य ना. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
vi.	कोळसो प्रदुशणाक लागुन आमी वास्कोत नितळ हवा घेवपाक शकनात. वास्को MPT बंदरातल्यान कोळसो आयात बेगोबेग थांबोवपाक जाय.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
vii.	भूजलात कॉलीफॉर्म आसप हांतुतल्यान भूजलाचे प्रदुशण सिद्ध जाता.	सद्याच्या वावरात प्रक्रीया करुंक नाशिल्ले सांड उदक सोडीनात आनी क्षमताय वाड प्रकल्पात ताची शक्यताय ना. कॉलीफॉर्माची हाजेरी प्रकरण 3, विभाग 3.11, कोश्टक 3.6, पान क्र. 3-10 हया पर्यावरणीय आधारभूत अभ्यासात दिला.
viii.	मडकय, शिरदोणा, बांबोळी, नावशी, काणका, ओशेल, दोना पावला आनी करंजाळेतल्या नुस्तेमारी लोकसंख्येक ईआयए अभ्यासातल्यान भायर दवरल्यात.	प्रकल्प क्षेत्राच्या 10 किमी परिघाचो नुस्तेमारी कडेन संबंधीत डेटा पर्यावरणीय आधारभूत दस्ताऐवजाचो वाटो म्हण गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालकाच्या नुस्तेमारी अहवालातल्यान घेतला. म्हायती तपासतले आनी निमाण्या ईआयए अहवालात नोंद करतले.
ix.	कार्यवाहीक लागुन जहाजांची हालचाल, तैल फैलाव आनी म्हाल हाताळणी आनी हस्तंतरण हाका लागुन जावपी वायु, उदक, आवाज हया पर्यावरण प्रदुशणाचे स्रोत ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 4 त दिल्यात. हाका लागुन प्रकल्प न्हयकारुंक जाय.	प्रकल्पाच्या सगल्या वावराक लागुन जावपी वायु, उदक, आवाजाच्या प्रदुशणाचो परिणाम, मुल्यांकन आनी शमन उपाय प्रकरण 4 त दिल्यात. मात टर्मीनलाच्या समुद्रा वटेन बदल प्रस्तावीत नाशिल्ल्यान, प्रस्तावीत अतिरीक्त/बदलिल्ल्या सागरी वावराक लागुन उल्लेखनीय न्हयकारी परिणामाची शक्यताय ना
x.	बार्जी तांचो कोयर आनी इंधन मांडवी आनी झुवारी न्हंयेत सोडतात. बार्जीतले उरिल्ले खनीज, हयो न्हंयो आनी कुंभारजुवा न्हंयेत सोडतात. बार्जी न्हंयत धुवातात आनी हाका लागुन प्रदुशण जाता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xi.	बार्जी वरवी खनीजाची येरादारी जाता थंय मांडवी आनी झुवारी न्हंयेत नुस्तेमा-यां खातीर मर्यादा आसात.	सागरी/उदका वटेनच्या वावराचे नियंत्रण MPT करता, कारण बंदराचे संवर्धनाचो वावर तांच्या कडेन आसा. सुचालन, जहाजांची सुवात बदलप आनी हेर संबंधीत वावराचेर आमचे नियंत्रण ना.
xii.	गोंयातल्या खंयच्या वाठारातल्यान कोळश्याचेर फवारणी करुंक उदक हाडतले. फवारणी करुंक कितल्या उदकाची गरज आसा.	ईआयए अहवाल, प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5.3.2, पान 5-15 त नमुद केल्ले प्रमाण उदकाची वट्ट गरज 500 kld आसा. टर्मीनल सद्या MPT च्या STP कडल्यान 200-250 kld प्रक्रीया केल्ले सांड उदक वापरता. धुल्ल दमना खातीर अतिरीक्त प्रमाणातले उदक PWD चलयता त्या बायणातल्या सद्या कार्यरत आशिल्ल्या 2300 kld CETP तल्यान घेवपाचे थारायला.
xiii.	गोंयात खंय तेलाच्या कोयराचो विलो लायतले.	धोकादायक आनी हेर कोयर नेम, 2016 त नमुद केल्ल्यो प्रथा आनी प्रक्रीया पाळुन तयार जाल्लो

		तेलाचो कोयर GSPCB च्या अधिकृत विक्रीत्याक दितात.
xiv.	गोंयात खंय घन कोयराचो विलो लायतले.	तयार जाल्लो घन कोयर विलो लावपाक मुरगाव नगरपालीका मंडळाक (MMC) सोपयतात.
xv.	तेल फैलावाचो किनारी वाठाराचेर परिणाम आनी सागरी संवेदनशील क्षेत्राची हानी हे सामके खरे आसा. वयर दिल्ल्या मुद्दयांचेर आमी MPT च्या धक्को क्र. 5a आनी 6a ची SWPL वरवी टर्मीनल क्षमताय वाड करपाक आमी खर विरोध करतात.	तेलाच्या कार्गोची सद्या हाताळणी जायना, आनी क्षमताय वाडीचो वाटो म्हण ती हाताळपाचो प्रस्ताव ना.
25. मॅगी सिल्वेरा, भारत मुक्ती मोर्चा, दिवाडी, गोंय.		
i.	JSW क धुल्ल दमना खातीर दर दिसा 3 लाख लीटर उदक आनी अग्नीशमना खातीर अतिरीक्त 1 लाख उदकाची गरज आसतली. ताचो 12 म्हयन्या खातीर वर्सुकी गरजे प्रमाण गुणाकार केला जे असामान्यपणान खुप आसा. हे मान्य ना. कितल्याश्याच कुटुंबांक आनी शाळेतल्या भुरग्यांक व्हांवते उदक मेळना. जाल्यार ते म्हणतात की कोळश्याच्या धुल्ल दमना खातीर सांड उदक वापरतले.	ईआयए अहवाल, प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5.3.2, पान 5-15 त नमुद केल्ले प्रमाण उदकाची वट्ट गरज 500 kld आसा. टर्मीनल सद्या MPT च्या STP कडल्यान 200-250 kld प्रक्रीया केल्ले सांड उदक वापरता. धुल्ल दमना खातीर अतिरीक्त उदक PWD च्या सद्या बायणात कार्यरत आशिल्ल्या 2300 kld CETP कडल्यान मेळोवपाचो प्रस्ताव आसा.
ii.	गोंय प्रदूशीत करपाची JSW क मान्यताय दिल्या कारण गोंय सरकार स्वताच प्रदूशीत आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	कोळसो प्रदूशणाक लागुन JSW क वास्कोत विनाश करपाक दिवप ही लजेची गजाल आसा.	
iv.	JSW न आपले ऑपरेशन्स बंद करुंक जाय आनी गोंयातल्यान भायर वचपाक जाय.	
26. ज्युडीथ आल्मेदा, कोलवा, साश्ट, गोंय		
i.	प्रदूशण नियंत्रण मंडळ कितलीशीच वर्सा गोंयात मायनींग धुल्ल प्रदुशण आडावपाक शकले ना. कोळसो प्रदुशणाचे नियंत्रण ते कशे करतले? लोक फुफुसांची दुयेसां आनी क्रांक्राक लागुन पीडा सोसतात आनी मरतात. हाचेर कीते आभ्यास वा डेटा एकठाय केला.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	कोळसो मिनेरांक तांच्या कोळसो धुल्ला सयत राज्यात हाडच्या आदी मायनींग आनी हेर उद्देगीक कोयराक लागून सध्या जाता त्या विध्वंसाच्या प्रदुशणाचे नियंत्रण करुंक GSPCB न पयली शिकपाक जाय. आनी जर तुमी हे करुंक शकनात जाल्यार हाव कोळश्याक ना म्हणता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
27. दो. सबिना मार्टीन्स, पणजी, गोंय.		
i.	कोळसो आनी हेर संबंधीक वावराक लागून कार्बन कण हवेत फाफसतले आनी हाका लागुन गंभीर वायु प्रदुशण जातले. कार्बन प्रदूशकांक लागुन श्वसन आनी भलायकेचे गंभीर प्रस्न जातले.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.

ii.	साठो करुन दवरिल्ल्यान उजो लागपाक शकता आनी ताचो परिणाम म्हणून भलायकेचो गंभीर परिणाम जांवपाक शकता. उदकांचो वापर करुन उजो पालवयल्यार कोयराचे उदक व्हावपाक शकता आनी अवजड धातूंक लागून भूजल दूशीत जांवपाक शकता. नुस्त्यांनी खाल्ले अवजड धातू आमच्या अन्न साखळेत प्रवेश करतले आनी लोकांनी खाल्ल्यान ताचे अवजड धातू वीख जातले.	SWPL त हाताळतात त्या कोळश्यात मुळातच आर्द्रता आसता, धुल्ल दमना खातीर आनी केन्नाय उजो लागल्यार तो पालोवच्या खातीर नियंत्रीत पद्धतीन अतिरीक्त उदकाची फवारणी करतात. हे उदक पुरायपणान म्हाल शोशुन घेता. उदक फवारणी /फॉगींग आनी अग्नीशमन वावराक लागुन घाण उदक तयार जावचे ना. मान्सुन तशेच हेर सुक्या मोसमात म्हाल धांपील्ल्या स्थीतीत साठोवन दवरतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन व्हांवपी उदक तयार जाता जे साठो (स्थायीक) तळ्यात एकठाय करतात, जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.
iii.	ड्रेजींगाक लागून नुस्त्याच्या प्रजननाचो -हास जातलो आनी ताका लागून नुस्तेमार समुदायाच्या येणावळीक तौटो जातलो.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
iv.	कोळसो हबाक लागून निश्चीतपणान सामान्य लोकांच्या जीवीताच्या दर्ज्याचेर परिणाम जातलो.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
28. दो. सबीना मार्टीन्स, बायलांचो साद, पर्वरी, बार्देज, गोंय.		
i.	ड्रेजींगाक लागून सागरी जीवीताच्या प्रजननाचो -हास जातलो, जे जायती बायलां आनी कुटुंबाचो उपदजिवीकेचो स्रोत आसा. जायती बांयला शेलफीश एकठाय करुन विकतात.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
ii.	कोळसो येरादारीक लागून कोळश्याचे प्रदूशण जातले आनी भलायकेच्यो समस्या आनी दुर्येसा जातली. श्वसनाच्या मार्गाचो संसर्ग, अस्थमा, खोकलो, दमो आदी कोळसो प्रदूशणाक लागून जाता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	काळे कण बशील्ल्यान ते निवळ करपाचे काम वाडतले. कपडे, फर्नीचर, जमीन, रांदपाची आयदना, घरातल्यो वस्तू जशे की फ्रीज, कंप्युटर आदींचेर बशील्ल्या कार्बन कणां खातीर भरपुर सांबाळ वेळ लागता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
29. डॉ. सबीना मार्टीन्स, गोवा बचाव अभीयान (GBA), पणजी, गोंय.		
i..	ड्रेजींगाक लागून सागरी जिवीताचेर गंभीर परिणाम जातलो, जे थळाव्या समुदायाचे उपजिवीकेचे साधन आसा. थळावी बायलां शेलफीशाचेर निंबुन आसात जाचो -हास जातलो.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
ii.	गोंयचो जैव संवेदनशील वाठार कोळसो प्रदूशणा कडल्यान राखचो अशी मागणी GBA करता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	कोळश्याक लागून जावपी वायु आनी उदकाचे प्रदूशण थांबोवपाक बेगोबेग पावला मारची अशी GBA ची GSPCB कडेन मागणी आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iv.	राज्य आनी केंद्रीय अधिकारणीन मुखार मांडिल्ले मुद्दे लक्षात घेवचे आनी ड्रेजींग, कोळसो हब स्थापन करप आनी कोळसो येरादारी थांबोवची अशी GBA ची GSPCB कडेन मागणी आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
30. कृष्णा साळकार, नगरसेवक, मुरगांव.		

i.	कोळसो येरादारी आनी साठ्याचे हे आदीच पर्यावरणाचेर विपरित परिणाम जाल्यात. वायु आनी आवाज प्रदुशणात वाड (ट्रकां वरवी जावपी कोळसो येरादारी). धुल्लाच्या प्रदूशणाक लागून जांयते भलायकेचे प्रस्न उप्रासतात.	सद्याच्या वावरात तशेच प्रस्तावीत क्षमताय वाड स्थीती रस्त्यावेल्यान म्हालाची येरादारी करपाचो प्रस्ताव ना.
ii.	उदरगत जरी महत्वाची आसली तरीय ती करुंक फावो ना जेन्ना ती पर्यावरणीय नदरेन शाश्वत ना आनी मनश्याच्या भलायकेचेर परिणाम करता - फक्त वास्कोचेच फुडले पिळगेचेर न्हय जाल्यार पुराय गोंयचे. कोळसो ऑपरेशन्साच्या प्रस्तावीत विस्ताराचो हांव खर विरोध करता आनी वास्को/गोंय कोळसो हब करपाच्या विचाराच्या विरोधात आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
31. मुरारी बांदेकार, नगरसेवक, मुरगांव.		
i.	बंदराचो विस्तार केल्यार कोळश्याची येरादारी वाडतली जाचो परिणाम म्हणून कोळश्याचे प्रदूशण जातले आनी फुफुसांच्या कांक्रांचे ते एक गंभीर कारण आसतले.	कोळश्याची धापिल्ल्या रेल्वे वाहकात येरादारी करतात. लोडींग वावर जालो तशे रोखडेच इन-मोशन वेगोन लोडींग यंत्रणा, योग्य तरेन राजून सुरक्षीत करुन बेगोबेग आनी आपचलीत रितीन म्हाल गाडी धांपतात, हाका लागुन म्हाल भायर सरपाची कसलीय शक्यताय उरना. प्रकल्प प्रस्तावक हो वावर एकदम कडकपणान करतात.
ii.	बंदराचो विस्तार करच्या खातीर ड्रेजींग करचे पडतले जाका लागून निवासी इमारती, घरां हांका खुप मार बसतलो आनी बेगीन मोडून पडतली. विस्तार शक्य ना आनी किना-याचेर ड्रेजींग खर्चीक आनी मनश्यांक धोक्याचे आसा.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
32. अभीजित प्रभूदेसाय, कुडतरी, गोंय.		
i.	सगल्या 3 प्रकल्पांचो ईआयए अहवाल अपुरो आसा आनी सकयल्या आधाराचेर तो करुंक जाय: • आदली बांधकामा, ड्रेजींगाची कामां, सीआरझेड आनी हेर मान्यताय, आदलो अभ्यास आनी अहवालाचे संदर्भ घेवचे आनी ते अभ्यासात आस्पावीत करचे. • झीजीचो अभ्यास आनी सायड स्कॅन सर्वेक्षण करचे.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
26. अभीजित प्रभूदेसाय, कुडतरी, गोंय.		
i.	कोळसो धक्को आनी हेर घाण /धोकादायक वावर वास्को शारा भायर व्हरात, आनी MPT न सद्याच्यो साधनसुविधा थळावो समुदाय आनी पर्यटनाच्या उदरगती खातीर परतुन दिवपाचेर काम करचे.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	PSUs च्या निर्णया वांगडाच खासगी वाठाराकय थर्मल कोळश्याची आयात बंद करपाचेर विनोवुंक जाय.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	हे प्रकल्प कोळसो क्षमताय वाडीखातीर आसुनय ईआयए अहवालात, ग्लोबल वॉर्मींग, हवामान बदल जीवाश्म इंधन, समुद्री पांवड्यात वाड हांचो एकूय उल्लेख ना.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो बंदर टर्मीनलाचेर कोळसो हाताळपा आसा. उपकरणांचे आधुनीकीकरण आनी सद्याच्या क्षमतायेचो बरो वापर हाका लागुन क्षमताय वाड हो प्रस्तावीत ब-या कार्यक्षमतायेचो

		परिणाम आसा. ग्लॉबल हवामान बदल प्रस्नाक संबोधीत करप ईआयए शीमेच्या भायर आसा.
iv.	लोकांचे आनी खासा करुन वास्कोतल्या नागरीकांचे आनी कोळसो प्रदूशणाक लागून मार बशिल्ले आनी प्रकल्पाक मान्यताय दिल्यार ज्या नुस्तेमा-यांची उपजीवीका आनी घरां नश्ट जातली तांचे कडेन सल्लो मसलत करच्या आदीच ह्या प्रकल्पाचे नियोजन केला आनी कार्यवाही सुरु केल्या.	निरीक्षण बरोबर ना. ईआयए अधिसूचोवणी, 2006 (दुरुस्ती) च्या तजवीजी प्रमाण ह्या आदी EC च्या प्रक्रीयेचो भाग म्हण MPT तल्या प्रकल्पा खातीर भोवशीक सल्लोमसलत केल्या.
v.	आदल्या ड्रेजींगाक लागून खारीवाडो किना-याची गंभीर झीज जाल्या. रुमडावाड्यावेलीं पलसणां कोसळपाक प्रवण दैवतेचो भंय मतीत घेतलो ना.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
vi.	सद्याच्या कोळसो हाताळणीक लागून जावपी वायु प्रदुशणाचो इतीहास ईआयए अहवालात ना. GSPCB न MPT क कोळसो हाताळणी 25 % उणी करपाचो निर्देश दिला. हाका लागून कोळसो क्षमतायेचो विस्तार मतीत घेवपाक मोळना.	GSPCB च्या निर्देशांक आवश्यक अनुपालन योग्य रितीन आनी बेगोबेग केल्ले आनी योग्य प्रक्रियेक पाळो दिवन प्रस्न सोडयिल्लो.
vii.	प्रवेश कालवो आनी धक्को 8, 9 आनी बार्ज धक्क्याच्या पुनर्वीकासा खातीरच्या ईआयए अहवालात दिल्ल्या तज्ज्ञांच्या वळेरेत अशे दिसून आयला की तांचेर सय करुंक ना. धक्को 5A, 6a वाडीच्या ईआयए अहवालात तज्ज्ञांच्यो सयो आनी घोशणापत्र ना. खंयच्या ईआयए अहवालात CRZ, भूगोल, हायड्रोजीओलोजी आनी हायड्रोलोजी खातीरच्या तज्ज्ञांची वळेरी ना.	WAPCOS हे QCI NABET चे मान्यतायप्राप्त सल्लागार, तांका कीतल्याश्याच प्रकारच्या प्रकल्पांत अणभव आसा. संबंधीत तज्ज्ञांचो सहभाग आनी मान्यताय प्राप्त ToRs च्या चौकटेतल्या कुशळतायेत ईआयए केला.
viii.	व्हडा प्रमाणात पोलीस दळांच्या हाजेरीत भंयाचे वातावरण तयार करुन भोवशीक सुनावणी घेतात. त्याच दिसा इतीवृत्त तयार करपाक अपेस आयिल्ल्यान अपुर्ण आनी चुकीचे इतीवृत्त तयार जाला जे फक्त व्हीडीओ चित्रीकरण पळोवनच समा करुंक शकतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ix.	ईआयए अधिसुचोवणे खालची पुर्ण प्रक्रिया निश्काळजीपणान आनी गंभीरपणा बगर केल्या, हाका लागून सरकारान श्रीमंत कोर्पोरेटां खातीर प्रस्तावीत ह्या प्रकल्पांक मान्यताय दिवपाचे हे आदीच थारायला अशे दिसता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
x.	प्रवेश कालवो आनी वळसो पात्राच्या प्रस्तावीत ड्रेजींगात 15 mt कॅपीटल ड्रेजींग आनी 6 mt सांबाळ ड्रेजींगाचो आस्पाव आसा. 6 mt च्या सांबाळ ड्रेजींगाक लागून बेन्शीक समुदाय केन्नाच परतुन प्राप्त जावचो ना आनी सागरी पर्यावरण आनी झुवारी न्हयच्या पुराय मुखातली नुस्तेमारी कायमची नश्ट जातली, मात हो गंभीर परिणाम मतीत घेवंक ना.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
xi.	रेल्वे आनी रस्त्यान कोळश्याची येरादारी केल्यार जावपी परिणामांचेर ईआयए अहवाल दुर्लक्ष करता. क्षणीक कोळसो धुल्लाचे प्रदूशण आनी येरादारीक लागून वाडिल्ल्या डिजेल प्रदुशणाचे कोळसो कॉरीडोरात रावपी लोकांची भलायकी, उपजिवीका आनी तांच्या कृशी क्षेत्राचेर जाल्ले परिणाम मतीत घेवपाक अहवालात अपेस आयला.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
xii.	पुराय प्रक्रिया बेकायदेशीर आनी सुरवे सावनच शून्य आसा कारण आदीच केल्ल्या बेकायदेशीर ड्रेजींगाक पर्यावरण कायद्या खाला कार्योत्तर मान्यताय दिवपाक जायना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xiii.	वास्को शाराक उच्च धोको आसा कारण कितलोसोच स्फोटक म्हाल हांगा हाताळतात आनी ताचो साठो जाता, जांतुत अमोनीया, पेट्रोलीयम उत्पादना, कोळसो आनी लाकडाच्या तुकड्यांचो आस्पाव आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.

xiv.	एकोड्या प्रकल्पाचे अदीक प्रकल्पात तुकडे करुन प्रस्तावकांनी कायद्याक फटयला.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xv.	सांबाळ ड्रेजींगाचो बेन्थीक समुदाया वांगडा संबंध, बेन्थीक समुदायाचो नुस्तेमारी बरोबरचो संबंध आनी नुस्तेमारीचो नुस्तेमा-यांच्या उपजिवीके कडलो संबंध निश्चित करुंक जाय जाका लागून परिणाम मुल्यांकन करपाक जातले.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
xvi	सगल्या 3 फॉर्म I त पुरायपणान फटींगपणा आसात आनी ईआयए अभ्यास मान्य ना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xvii.	प्रवेश कालवो खोल करपाच्या ईआयए अहवालात अशे म्हळा की एमपीटी वाठाराच्या 10 किमी क्षेत्रात किनारी झीज जांवक ना हे पुरायपणान फट आसा. हो प्रकल्प सोडुन दिवचो आनी गोंयात कोळसो हाडपाचो विचार बंद करचो अशे आवाहन करता.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
27. कांसावली ग्रामस्थ कृती समिती, गोंय - प्रिशीला फेर्नांनडीस आनी आंतोनीयो फेर्नांनडीस.		
i.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 प्रमाण ईआयए अहवालाचो पुराय मसुदो थळाव्या भाशेत, कोंकणीत आमच्या कासांवली, आरोशी, कुयेली ग्राम पंचायतीत मेळुंक ना.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
28. सुरेश बर्वे, वास्को.		
i.	चिखले, चिकोळणा आनी सांकवाळे गांवातल्या पंचायतीत उपलब्ध आशिल्लो ईआयए अहवाल पळोवपाक न्हयकार दिलो. प्रत आरटीआय खाला मागची असो सल्लो म्हाका पंचायतीतल्या कर्मचा-यांनी दिलो. हया पंचायतींक बरयील्ले पत्र जोडलां.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	थळाव्या भाशेत ईआयए अहवालाचो मसुदो भोवशीक छाननी खातीर उपलब्ध करुन दिंवक ना जी ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 खाला आवश्यकताय आसा.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
29. डायना तावारीस, मडगांव, गोंय.		
i.	हया 3 प्रकल्पा खातीरचो ईआयए अहवाल गुन्यावकारी, फटींग, पुरायपणान लोक विरोधी आनी पर्यावरण विरोधी आसा. गोंयात सल्लोमसलत करिनास्तना घाण कोळसो गोंयात हाडपाचो निर्णय कशे घेवपाक शकतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	पयल्या वर्सा 15mts ड्रेजींग आनी त्या उपरांत दर वर्सा 6Mt ड्रेजींग जातले, जाचो अर्थ ते सागरी पर्यावरण, नुस्ते, समुद्री सस्तान आदी मारुन वडयतले, खारीवाडो किनारो ना जावप, सडा दोंगुल्ली कोसळप आदी हजारांनी जाणांक विस्थापीत करतात.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
iii.	MPT चो कोळसो साठो अमोनीया टाकयांक लागुन आशिल्ल्यान आपत्ती वेवस्थापन आराखडो ना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.

iv.	कोळश्यान तयार केल्ल्या ग्लॉबल वॉर्मींगा आड झुजपाची आमची फुडले पिळगे कडेन लागणुक आसा. MPT तलो कोळसो पुरायपणान काडुन वडोवपाक जाय.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
v.	2016 वर्साच्या सुरवेक MPT न केल्ल्या बेकायदेशीर ड्रेजींगाक लागुन कसलीय मान्यताय मेळोवपाक तांका अपात्र थारायता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
vi.	6 न्हयांचे ड्रेजींग करुन गॉयाक कोळसो हबात रुपांतरीत करपाक MPT प्रकल्पांची अंमलबजावणी करता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना,
vii.	ह्या प्रकल्पाचो सगल्यात चड बेकायदेशीर आनी असंवीधानीक पैलू म्हळ्यार जींदाल, अदानी आनी वेदांता खातीर येरादारीचे शुल्क उणे करप.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
30. संजय रेडकार, नीज गोंयकार फौज, पट्रोंग बायणा, वास्को.		
i.	ड्रेजींग आनी वर्सुकी सांबाळ ड्रेजींगाक लागुन पर्यावरण आनी मीनवी वस्तींचेर व्हडा प्रमाणात पालसणां कोसळतली. सुरवेचे 15 दशलक्ष m3 ड्रेजींग आनी त्या उपरांत वर्सुकी 6 दशलक्ष m3 ड्रेजींगाचो परिणाम म्हणुन पर्यावरणाची महत्वाची कायम हानी जातली. चिखले खाडीतले आमचे दायज आनी जैवविवीधतायेचेर परिणाम.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
ii.	सगलो एकोडो प्रकल्प म्हण एकठाय परिणाम मुल्यांकन आनी वेगवेगळे प्रकल्प म्हण न्हय. सगले 3 प्रकल्प एकमेकांचेर निंबुन आसात आनी एक प्रकल्प म्हण मानचे. धक्क्याचो विस्तार, ड्रेजींग आनी कोळसो वाड प्रकल्पाचो आमी एकठायपण विरोध करतात.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
31. शारधा आमोणकर, नगरसेवक, वास्को		
i.	बंदराचो विस्तार केल्यार कोळश्याची येरादारी वाडतली जाचो परिणाम म्हणून कोळश्याचे प्रदूशण जातले आनी फुफुसांच्या कांक्रांचे ते एक गंभीर कारण आसतले.	प्रस्तावक आपल्या बंदर टर्मीनलाचो विस्तार करीना.
ii.	बंदराचो विस्तार करच्या खातीर ड्रेजींग करचे पडतले जाका लागून निवासी इमारती, घरां हांका खुप मार बसतलो आनी बेगीन मोडून पडतली. विस्तार शक्य ना आनी किना-याचेर ड्रेजींग खर्चीक आनी मनश्यांक धोक्याचे आसा.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
32. कल्याणी मांद्रेकर, बायणा ग्राम, वास्को.		
i.	• SWPL ही कंपनी आसा जीणे धाकली युनीट जशे की हॉटेलां, गॅस्ट हावज हांका मजत केल्या. • अतिरीक्त येणावळीक लागुन गावांची अर्थीक स्थीती सुधारता.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात. प्रकल्प क्षेत्राच्या सामाजीक - अर्थीक आनी पर्यावरणीय उदरगती खातीरच्या CSR वावरा खातीर

		SWPL बांधील आसा. SWPL न फुडल्या 5 वर्सात रु. 825 लाखाचे नियोजन केलां.
33. मोहमद सी., वास्को		
i.	• SWPL ही कंपनी आसा जीणे स्वच्छ भारत अभीयानात वाटो घेतला. • CSR च्या वाठारात, सडा, बोगदा आनी बायणा गावांतल्या वेगवेगळ्या सुवातांनी कोयराचे डबे स्थापीत केल्यात. • SWPL न वास्को शाराचो सौंदर्यशास्त्रीय देखावो वाडोवपाक मजत केल्या आनी नितळ सवयो रुजयल्यात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात. प्रकल्प क्षेत्राच्या सामाजीक - अर्थीक आनी पर्यावरणीय उदरगती खातीरच्या CSR वावरा खातीर SWPL बांधील आसा. SWPL न फुडल्या 5 वर्सात रु. 825 लाखाचे नियोजन केलां.
34. राहुल बसू, गोवा फांवडेशन, म्हापसा		
i.	एका प्रकल्पाची एकामेकांक जोडीलल्या भोव प्रकल्पांत विभागणी करपाक विरोध करता. हो प्रकल्प MPT चो सुचालन कालवो केपसायझ जहाजां खातीर खोल करपा कडेन आनी धक्को क्रमांक 8, 9 आनी बार्ज धक्क्याच्या पुनर्विकासाकडेन जोडिल्लो आसा. तशेच सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे आनी राश्ट्रीय म्हामार्गाचे दोट्टीकरण आनी गोंयातल्या स न्हयांच्या राश्ट्रीयकरणा कडेन जोडिल्ले आसा.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआय़ए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
ii.	फॉर्म I: फॉर्म 1 चेर PP न सय करुंक ना, ताजेर VP (प्रकल्प) JSW इन्फ्रा हांणी सय केल्या, हाका लागुन पुराय फॉर्म 1 अवैध थारता.	VP (प्रकल्प) JSW साधनसुवीधा SWPL प्रकल्पांचे, प्रकल्प मुखेली.
iii.	फॉर्म I तली चुकिची म्हायती: • Para III (7), संरक्षण स्थापना: प्रकल्पाच्या 15 किमी हवाई अंतरा भीतर कितलीशीच स्थापना आसात. देखीक INS हंसा, INS मांडवी. • Para III (8), दाट लोकवस्तीचे क्षेत्र: MPT वास्को शाराच्या मध्यवर्थी वाठारात आसा आनी त्याच खातीर ते क्रुज टर्मीनल बंदरांत रुपांतरीत करपाचो आनी सरभोवतण्या उण्या लोकवस्तीच्या वाठारात धोकादायक आनी घाणेरडे म्हाल हालोवपाचो प्रस्ताव सरकारान दवरील्लो. • Para III (9), क्षेत्र व्यापिल्ले आसा. • संवेदनशील सस्तन प्रण्याचो भुंय वापर: MPT चे स्वताचे हॉस्पीटल आसा आनी वास्को शार आनी प्रकल्पाच्या सरभोवतणच्या वाठारात जायती हॉस्पीटलां आसात. • Para III (10), महत्वाची उच्च दर्ज्याची स्रोतां आशिल्ले वाठार: ते खुप आसात. देखीक, चिखली खाडी, फक्त 2 किमी पयसुल्ली न्हय वींडोपॅन ओयस्टर खातीर फामाद आसा जे नामशेश जावपाक लागी पावला. ग्रेन्ड जुव्याचेर उच्च जैवविवीधतायेचे कोरल रीफ आसात.	2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.

	• Para III (11), हे आदीच प्रदुशण जाल्ले वाठार: सद्याचे कोळसो हाताळणी धक्के ह्या गटांत येतात. रेल्वे धांपील्ल्यो गाडयां वापरीना, हाका लागुन सगलो वाठार प्रदुशीत जाता. न्हयचे उदक पॅवपाक योग्य ना.	निरीक्षण बरोबर ना.
iv.	ईआयए मसुदो अहवाल- • धक्को 5-6 खातीरच्या ईआयए त अत्यंत धोक्याचो उल्लेख ना. लागसरच्या वाठारात अमोनीया टाकी आसा तशेच POL हाताळपी पायपलायनी जांतुतल्या नाफ्ता सारखे ज्वलनशील पदार्थ व्हरतात. कोळसो साठे परत परत धुंवरेत आसतात. धुल्ल दमनाच्या गैरहाजेरेत, MPT कोळसो धुल्ल स्फोटाचो धोको घेता. • धक्को 8-9 खातीरच्या ईआयए मसुदो अहवालात पुर्णपणान धापिल्लो कोळसो साठो, अग्नीशमन आनी धुल्ल दमन यंत्रणे सयत सज्ज, प्रस्तावीत आसा. मात धक्को 5A, 6A खातीरच्या ईआयए अहवाल मसुद्यात अशी आवश्यकताय ना अशे म्हळां. जेन्ना विद्यमान पर्यावरणीय नेमांक पाळो दियनात तेन्ना विस्तारीकरणाचो विचार कसो करुंक शकतात.	• MSIHC नेम, 1989 (दुरुस्ती, 2000) प्रमाण प्रकल्पाच्या क्षमताय वाडीचो भाग म्हण कसलोच धोकादायक म्हाल हाताळपाचो प्रस्ताव ना. सद्याच्या आनी प्रस्तावीत वावराक लागुन कसल्योय ऑफसायट घडणुको (SWPL वाठाराच्या शीमे भायर परिणाम आसपी) जावपाची शक्यताय ना. कोळश्याच्या धुल्लाचो स्फोट असीमीत वातावरणात जायना. • निरीक्षण समा ना. धांपील्लो म्हाल, धुल्ल दमनाची हाजेरी आनी आग्नीशमन यंत्रणा सद्याच्या वावराचो भाग आसात.
v.	वायु दर्ज्या खातीर अभ्यास काळ हो फक्त मार्च ते मे मेरेन आसा. मात तो डिसेंबर - जानेवारी आसुंक जाय कारण ह्या काळात तापमान उणे आसता आनी धुल्ल दाट आसता. फक्त कांय अश्या सुवातीवेल्या डेटाचे विश्लेशण केलां जंय प्रदुशणाचो भार उणो आसा.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्ज्यात केलां.
vi.	सागरी अभ्यास 2 दिसां भीतर पुराय केल्लो. हे अपुरे आसा.	समुद्री उदक मुल्यांकन APHA च्या मानक नेमांक पाळो दीवन सागरी डेटा एकठाय केला आनी ताचे विश्लेशण केला. *in-situ* डेटाचे बेगेबग सुवातेरच विश्लेशण केला आनी बाकीचे नमुने सांबाळुन दवरुन फुडल्या विश्लेशणा खातीर प्रयोगशाळेत धाडिल्ले.
vii.	पावसाच्या उदकातल्यान व्हावपी घाण उदक धोकादायक आसता. मात ताचे नियंत्रण आनी प्रक्रिया करुंक ना. मान्सुन काळात ते न्हंयेत व्हावन वता.	हेर मोसमा वरीच पावसाच्या दिसांनीय म्हालाचो साठो धांपिल्ल्या स्थीतीत करतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन व्हांवपी उदक तयार जाता जे डंप (स्थीर) तळ्यात एकठाय करतात, जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.
viii.	व्हडले मुद्दे: • सगल्या विस्तार प्रकल्पांत, इतीहासीक पर्यावरणीय वावर आनी अनुपाल अहवाल आनी हेर खंयचीय म्हायती मसुदो आनी अंतीम ईआयए वांगडा भोवशीक प्रगटीकरणाचो वाटो आसुंक जाय. • सगल्या प्रकल्पा खातीर, PP, संचालक आनी वरिश्ट अधिका-यांची 10 वर्सा काळाची पर्यावरणीय प्रणाली नोंद दिवपाक जाय, हे थारावपाक की ते वावरा खातीर उचित आनी योग्य लोक आसात कांय ना. • EIAs चडशे सहाय्यक अभ्यासाचेर निंबून आसात. सगले अभ्यास ईआयए मसुद्याचो वाटो म्हणुन उक्तो करुंक जाय. • अभ्यास आनी डेटा संकलना आदी लोकांक म्हायती दिवपाक जाय. मागीर ते तपासूंक शकतले की डेटा खरोच एकठाय केल्लो.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआय़ए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.

	• कंप्युटर कोडा सयत एकठाय केल्लो सगलो डेटा निकालाची तपासणी करच्या खातीर भोवशीक अधिकार क्षेत्रात दिवपाक जांय. • हे खंयच्याय सहाय्यक अभ्यासाकूय लागू जाता.	
35. पिटर सीरील आंद्राद, वास्को.		
i.	JSW आपली गोंयातली क्षमताय कर्नाटकांतल्या प्रकल्पां खातीर वाडयता. इतली वर्सा SWPL बंदराचो गोंयाक कसो लाव जाला आनी ह्या प्रकल्पाचो नागरीकांक कसो लाव जातलो.	हे टर्मीनल भारत सरकार आनी गोंय सरकाराच्या योग्य मान्यताय आनी कर कारभारा खाला वावर करता. ह्या वावराचो एक महत्वाचो सकारात्मक परिणाम म्हळ्यार थळावी रोजगार निर्मीती आनी दुय्यम वेवसाय. प्रकल्पाचे प्रस्तावक लागीच्या निवासी क्षेत्रात जनतेच्या फायद्या खातीर CSR वावर करता.
ii.	हे सुवीधेत कितल्या गोंयकारांक रोजगार दिला आनी वाडी उपरांत कितल्यांक रोजगार दिवपाचो प्रस्ताव आसा. अशे तरेच्या वावरातल्यान गोंय सरकार आनी MMC क कितलो महसुल मेळता.	SWPL टर्मीनलाचेर काम करपी सद्याच्या 400 कामगारांतले सुमार 60% कामगार गोंयकार आसात. प्रकल्प ब-या कार्यवाही कार्यक्षमतायेतल्यान तयार जाल्लो परिणाम स्वरुप वाड आशिल्ल्यान, प्रस्तावीत क्षमताय वाडीच्या अंमलबजावणी उपरांत रोजगारांत उल्लेखनीय अशी वाड नासतली. भारत सरकार आनी MMC क फारीक केल्ल्या महसुला कडेन संबंधीत प्रस्न, योग्य मार्गान विचारल्यार कंपंनी ताची जाप दिवपाक शकता, कारण ती संवेदनशील/गुप्त गटां खाला आसुंक शकता आनी एकतर्फी पणान दीवपाक जायना.
iii.	GSPCB केल्ल्या AAQM तली निरीक्षणां ईआयए अहवालाच्या मसुद्यांत आस्पावीत ना. ईआयए अहवालात नमुद केल्लो AAQM अहवाल चुकीचो आसा आनी अशे सुवातेच्या AAQM स्थानकांचेर केला जंय वायु प्रदुशणाचो पांवडो प्रभावीपणान नोंद जायना.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्ज्यात केलां.
iv.	प्रस्तावीत प्रकल्प सुवातेच्या सरभोवतणी नुस्तेमारी वावर जांयना हे निवेदन चूकिचे आसा अशे तांणे सांगला. नुस्तेमारी जहाजांच्या विस्ताराचेर अहवालात मौन आसा आनी खारीवाडा जेटी वेलो वावर ईआयए अहवालात ना.	निरीक्षण समा ना. बंदर ISPS सहत्व आशिल्ल्यान सुरक्षा कारणांक लागुन बंदर वाठार आनी लागसरच्या कालव्यात नुस्तेमारीक मान्यताय ना. खारीवाडा FLC वेल्या नुस्ते लॅंडीगाचो तपशील प्रकरण3: विभाग 3.19, पान क्र. 3.72 दिल्या.
v.	प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या सरभोवतणी कासवांची पिलां घालपाच्यो सुवातों ना ह्या ईआयए अहवालातल्या वक्तव्याचेर तांणी आक्षेप घेतला. कासवांचे बायणा किना-यार प्रजनन जाता आनी थंय तांती घालतात हाचो स्पश्ट पुरावो आसा अशे तांणी सांगला. हाचे वेल्यान असे दिसता की अयोग्य अभ्यास केला अशे तांणी म्हळा.	निरीक्षण समा ना. वेगवेगळे आनी सहज तांती घालपाच्यो घडणुकों कासवाची तांती घालपाच्यो सुवातों म्हणुन

		वर्गीकरण करुंक ना.
vi.	वास्को आनी सरभोवतण्या वाठारात कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन कोळसो प्रदूशण आसा हे सत्य ते न्हयकारुंक शकनात अशे तांणी म्हळां. SWPL च्यो वास्को शार, खारीवाडा, बायणा, चिखली आनी मंगोर हीलाचेर परिक्षण सुविधा ना?	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. GSPCB न निर्देश दिल्ल्या सुवातांचेर AAQची देखरेक केल्या आनी तांका ताचे निकाल नेमान दिल्यात.
vii.	SWPL चो ईआयए म्हणता की प्रकल्पाच्या 10 किमी परीघात फक्त 1540 नुस्तेकार सापडल्यात जांतुत वास्को शारांत 262, बायणांत 421, बोगमाळ्यार 109 आनी वेळसांव 348 नुस्तेकार आस्पाव आसा. नुस्तेकार संघटना म्हणता गोंयात 10000 नुस्तेकार आसात. SWPL न नुस्तेमार समुदायातल्या कितल्या लोकांक रोजगार दिला?	प्रकल्प सुवातेच्या 10 किमी परिघातलो नुस्तेमारी कडेन संबंधीत डेटा गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालक, नुस्तेमारी अहवालातल्यान पर्यावरणीय मुलभूत दस्ताऐवजातल्यान घेतला. बंदर टर्मीनल वावर हो उच्च विशीश्ट उद्देगीक वावर आसा जांतुत संबंधीत, नोकरेची -विशिश्ट पात्रताय, प्रशीक्षण आनी कुशळतायेची गरज आसा. मात, SWPL थळाव्या रोजगाराक सदाच प्राधान्य दिता.
viii.	EIA मुद्दाम अशे दाखयता की थळाव्या नुस्तेमारीचेर सामको उणो परिणाम जाता. प्रकल्प सुवाते कडल्यान खारीवाडो, बायणा, बोगमाळो किना-या वेली नुस्ते देवोवपाची केंद्रा कितल्या अंतराचेर आसात हाचो उल्लेख ना.	नुस्ते लेंडीगाचो तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.19, पान क्र. 3.72 त दिला.
ix.	MMC त खुप व्हडली लोकसंख्या आनी उद्देग आसात जशे की बंदर, रेल्वे, तेलाच्यो टाकयो, अमोनीया टाकयो, फोस्फेरीक एसीड टाकयो, कोळसो साठो, लाकडाच्या तुकड्यांचो साठो. मात ईआयए अहवालात म्हळां की भूजल दर्जो खुप बरो आसा. धुल्ल दमन उपायांक लागुन भूजल प्रदुशण जांवपाक शकता अशे ईआयए तज्ञ म्हणतात.	निरीक्षण समा ना. धुल्ल दमन वावराक लागुन भूजल प्रदूशीत जावपाची शक्यताय ना.
x.	MPT जांका कोळसो हाताळणी आनी साठ्याची उंची 7 m आनी धक्को क्र. 10/11 चेर धापिल्लो साठो राखप जमले ना, ते खात्री दिवपाक शकतात की उंची आनी हेर अटी घाल्यार प्रकल्प प्रस्तावक तांका पाळो दितले.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xi.	रेल्वे डब्यांक लागुन मनश्यां वरवी हाताळणी जाता ती रेल्वे क्रॉसींगां परत परत बंद जातली, जरी रेल्वेन क्रॉसींगाचेर पुल बांदपाचो प्रस्ताव दवरला तरी ते जावपाक वर्सा लागतली. ट्राकां वरवी म्हालाची येरादारी जाता म्हण शारांतल्या लोकांक त्रास जातात. खुप जाण म्हणतात की प्रदुशण हे वाहनांच्या येरादारीक लागुन जाता आनी कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन न्हय. ट्रेनी शारांतल्या वतात तेन्ना हॉर्नांचो आवाज आनी धातु एकामेकांक आदळील्ल्यांनी जावपी आवाजाक लागून शाराक त्रास जाता आनी रेक्सांत वाड जाल्यार समस्या आनीक वाडतली.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xii.	ईआयए असो दावो करता की CSR खाला समाज सेवा केल्या मात आमच्या घरांक कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन मार बसला.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xiii.	रेल्वे लायनीच्या दोड्डीकरणाक लागुन मडगांव ते बंदर मेरेन लायनीच्या लागी आशिल्ली घरां ते मोडतले असो भंय आसा.	रेल्वे साधनसुवीधा हया प्रकल्पाच्या व्याप्तीत येना. रेल्वे दुपदरीकरण प्रस्तावीत क्षमताय वाडीचो भाग ना. म्हालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुवीधेत आस्पावन घेवपाक जाता.

xiv.	कोळश्याचे प्रमाण वाडोवपाक मान्यताय ना. हो अहवाल न्हयकारला आनी MPT तली पुराय कोळसो हाताळणी बेगोबेग बंद करची.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
36. संजय रेडकर, नीज गोंयकार फौज, पणजी, गोंय		
i.	प्रकल्पाच्या सुवातेच्या 10 किमी परिघात दाट लोकवस्तीचो निवासी वाठार आसा. वायु प्रदुशणाक लागुन प्रकल्पाच्या सरभोवतणच्या लोकांच्या भलायकेक धोको निर्माण जाता. उच्च निलंबीत कण श्वसनाची दुयेंसा अस्थमा, क्रोनीक ब्रोंकायटीस, कार्डीओवास्कुलर अशी दुयेसा वाडतात.	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.
ii.	सद्याची माल हाताळणी आनी सुक्या बल्क म्हालाच्या येरादारीक लागुन वास्कोत सदाच प्रदुशण तयार जाला आनी मुरगाव नगरपालीका मंडळान (MMC) जायत्यो कागाळी केल्यात आनी आक्षेप घेतल्यात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	एकठाय परीणाम मुल्यांकन हे एकोडो प्रकल्प म्हण जावचे आनी वेगवेगळे प्रकल्प म्हण न्हय. सगले 3 प्रकल्प एकामेकांचेर निंबुन आसात आनी ते एक प्रकल्प म्हण मानचे.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
iv.	सरभोवतणच्या वायु दर्ज्याच्या देखरेख स्थानकांच्या सुवातींचेर आक्षेप आसा, कारण तांतुतली चार दोंगुल्लेचेर आसात आनी वा-याच्या दीशेत ना.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यांत केलां.
37. श्रीमती. मेडेलायन पेरेरा, वास्को		
i.	कोळसो हाताळणीत वाड जाली जाल्यार पांवडो कीते आसतलो हाचेर आमी गंभीर भंय उक्तायतात. कोळसो प्रदुशण हे सवकास आनी मौन हत्यारो, कोळसो धुल्लाचे जे आमी श्वसन करतात ताचो परिणाम फुफुसांच्या कांक्रांत जाता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	हे तीनय प्रकल्प कोळसो वाडोवपा कडेन संबंधीत आसात. सिद्धांतीक नदरेन सगले प्रकल्प बरे दिसतात मात जे दाखयला त्या परस प्रत्यक्ष वस्तुस्थीत खुप पयस आसा आनी एक फावट प्रकल्प कार्यान्वीत जाल्या उपरांत प्रदुशणाच्या पांवड्याचेर कोण नदर दवरतलो.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
38. जॉर्जीया फियोला रेगो, आदली नगराध्यक्ष, MMC वास्को, 39 सयां सयत.		
i.	वायु प्रदुशण आनी भलायकी - वास्को शार आनी वयर दिल्लो हेर वाठार खर कोळसो प्रदुशण सोसता आनी गोंय प्रदुशण नियंत्रम मंडळान जारी केल्ल्या कितल्याश्याच कारणां दाखय नोटीस आनी काम बंद	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.

	कर आदेशा वेल्यान हे सत मान्य केला. कितल्याश्याच वर्साच्यो जायत्यो नोटीशी आनी आदेशा उपरांतय MPT, अदानी आनी JSW हांका प्रदुशण आडावप शक्य जाले ना. कोळसो आयातीतली प्रस्तावीत वाड हया सगल्या गंभीर प्रदुशीत वाठारा खातीर भलायकी आनी पर्यावरणाची आपत्ती थारतली आनी म्हणुन हे पुरायपणान मान्य ना.	
ii.	नुस्त्यांचेर परिणाम - वास्को खाडी, झुवारी न्हंय आनी संबंधीत वाठारातले सागरी जिवीत आनी जैवविवीधताय भरपुर समृद्ध आसा आनी कोळसो विस्ताराक लागुन ताचो आनी खासा करुन प्रवाळीं आनी संरक्षीत प्रजांती जशे की वींडो पॅन ऑयस्टर्स, डॉल्फीन्स आनी व्हेल हांचो विद्धंस जातलो आनी मुरगाव बंदराच्या प्रस्तावीत ड्रेजींगाक लागुन मुरगाव हार्बर आनी शेजाराच्या वाठारांतल्या नुस्तेमारीचो विद्धंस जातलो जांतुत वास्को खाडी, चिखली आनी सांकवाळे हया वाठाराचो आस्पाव आसा.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. ईआयए अहवाल आनी तांच्या वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
iii.	नुस्तेमा-यांचे विस्थापन– कोळश्याच्या आयातीतली प्रस्तावीत वाड, ड्रेजींग आनी आवश्यक साधनसुविधांक लागुन गोंयचे नुस्तेमार समुदाय पुरायपणान विस्थापीत जातले. हे अभूतपुर्व विस्थापन ईआयए अभ्यासात नमुद लेगीत करुंक ना. ईआयए अभ्यासात विस्थापनाचे प्रमाण दिवपाचो आनी खारीवाडो, बायणा आनी देस्तेरोतल्या नुस्तेमार समुदायाक, जांका हे आदीच केल्ल्या बेकायदेशीर ड्रेजींगाचो आनी हया आदीच सुरु जाल्ल्या रस्तो बांधकामाचो थेट मार बसला तांका जावपी नुकसाणाचे प्रमाण दिवपांचो यत्न लेगीत करुंक ना. हया प्रकल्पाक लागुन बायणा, देस्तेरो आनी खारीवाड्यार हया आदीच शंभरा वयर नुस्तेमार कुटुंबाचे विस्थापन जाला ताची नोंद करपाक ईआयए अहवालात अपेस आयला.	ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
iv.	सावथ वेस्टर्न रेल्वे आनी NH17B आनी NH4 चे दुपदरीकरण - कोळश्याच्या प्रस्तावीत आयाती खातीरच सावथ वेस्टर्न रेल्वे रुळाचे दुपदरीकरण प्रस्तावीत आसा. दुस-या रेल्वे रुळाच्या बांधाकाम बगर हे प्रकल्प अर्थशून्य आसात. सद्याचो रेल्वे रुळ गोंयाच्या दाट लोकसंख्याच्या गावांतल्यान धावता आनी थळ्याव्या समुदायाच्या विस्थापना बगर दोट्टीकरण शक्य ना. NH 17B आनी NH 4A च्या वेगवेगळ्या विभागात चालु आशिल्ली कामां लेगीत अतिरीक्त कोळसो आयाती खातीर आसात, तरीय हे सत लेगीत लोकां कडल्यान लिपयला.	रेल्वे साधनसुवीधा हया प्रकल्पाच्या व्याप्तीत येना. रेल्वे दुपदरीकरण प्रस्तावीत क्षमताय वाडीचो भाग ना. म्हालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुवीधेत आस्पावन घेवपाक जाता.
39. संदीप मयेकार, अध्यक्ष, मुरगांव अवेन्यु सहकारी हावजींग सोसायटी लि. 26 सयां सयत		
i.	मुरगांव सहकारी हावजींग सोसायटीच्या रहीवाश्यांच्या वतीन आमी सकयल सय केल्ले अशे सांगुक सोदतात की आमच्या सोसायटी लागसार MPT करता त्या कोळसो, लोह खनीजा कडेन संबंधीत वावराक लागुन वायु प्रदुशणाचे संकश्ट आमी सोसतात.	प्रस्न विचारुक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	MPT वरवी जावपी कोळसो /लोह खनीज आदींचे लोडींग/अनलोडींग/ येरादारी हया वावराक लागुन कोळसो, लोह खनीजाचो धुल्ल तयार जाता आनी तो लागसारच्या वाठारात फाफसता. शासा करुन	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.

	रातच्या थंड वेळार वायु प्रदुशण आनी धुल्ल फाफसप अती जाता. हया व्यतीरीक्त, धुल्ल घरां आनी भोवशीक रस्ते /उक्त्या सुवातार फाफसता आनी सकयल बसता. रातच्या वेळार भोवशीक रस्त्यांचेर साठील्लो हो धुल्ल फुडे दिसाच्या वेळार रस्त्यांचेर वाहनांची येरादारी जाता तेन्ना वायु प्रदुशण तयार करता.	आमची कसलीय लोह खनीज हाताळणी प्रस्तावीत ना.
iii.	हे वायु प्रदुशण लोकां खातीर गंभीर स्वरुपाचे आसा. हया संबाधान आमच्या सोसायटीतले रहिवाशी भलायके कडेन संबंधीत समस्यांक फुडो करतात. श्वसनाची दुर्येसा जातली हया भयांन भुरगी भायर खेळपाक शकनात. हाका लागुन आमची जनेलां आनी दारां खुप वेळ बंद दवरप आमका सक्तीचे जाता, रहिवाश्यांच्या भलायकी कडेन संबंधीत पैलू मतीत घेवन ते आमका फायद्याचे ना.	NAAQS, 2009 चेर उत्सर्जनाचे संकेद्रकरणाचो भलायकेचेर परिणाम जाता अशे म्हणप चूकीचे.
iv.	आमच्या सोसायटीचे रहीवाशी आनी MPT वाठारात रावपी सामान्य जनतेक तौंड दीवचे पडता त्या गंभीर स्वरुपाच्या समस्येक लागुन आमी हे निवेदन सादर करतात. सुरवातेच्या पांवड्यार हयो समस्या सोडयल्ल्यार नागरीक फक्त श्वसनाच्या आनी हेर भलायकेच्या दुर्येसा कडल्यान वाटावतले तशेच खासा करुन राष्ट्रीय हरीत लवाद आनी न्याय वेवस्थेन उंचा पांवड्यावेल्या प्रदुशणाचेर हुस्को उक्तायल्या उपरांत वाठारातले प्रदुशण नियंत्रणात दवरपाक मजत जातली.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
v.	प्रदुशण फाफसोवपाक आळाबंद हाडिल्ल्यान नीतळ आनी पांचवे गोंय करपात आमचे योगदान दिवपाक मजत जातली.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
40. हेन्नीक डिमेलो, सरपंच, वेळसाव, मुरगांव **41. मेघा गुलाटी, बायणा.** **42. टेरेन्स जॉर्ज, ईआयए स्रोत आनी प्रतीसाद केंद्र (ERC), पणजी, गोंय.**		
i.	सावथ वेस्ट पोर्ट ली. च्या क्षमताय वाड, प्रवेश कालवो खोल करप, धक्को क्र 8, 9 आनी बार्ज धक्क्याच्या पुनर्विकासा खातीरचो ईआयए अहवालाचो मसुदो भोवशीक छाननी खातीर थळाव्या भाशेत उपलब्ध करुंक ना, ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 च्या सकयल्या कलमां खाला ते आवश्यक आसा. थळावो ईआयए अहवाल पणजेतले मध्यवर्ती वाचनालय, चिखली पंचायत आनी PCB च्या संकेतस्थळार उपलब्ध ना. ईआयए अहवालाच्या प्रमाण 10 किमी परिघात आशिल्ल्या वेळसाव पंचायतीत तो सादर करुंक ना (दिसाळ्यातल्या जायराती प्रमाण).	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
ii.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या प्रक्रिये प्रमाण भोवशीक नोटीस सदोश आसा, कारण फक्त थळावे लोक फक्त थळाव्या भाशेतल्या कार्यकारी सारांशातल्यान प्रकल्पाचे परिणाम समजुन तांचेर टिपण्णी करतले अशी कोण अपेक्षा करुंक शकना.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.

43. फा. सावीयो फेर्नांडीस, सामाजिक न्याय आनी शांती खातीर मंडळ, पणजी, गोंय.		
i.	तयार केल्ले ईआयए अहवाल स्पश्टपणान दाखयतात की हे सगले प्रकल्प MPT तली पयल्या पांवड्यातली कोळसो हाताळणी सद्याच्या 7.5 दशलक्ष ते 25 MT करपा खातीर आसा. बेतुल हांगा कोळसो बंदर करपाचे ताकतीकेचे विचार आसात आनी 6 न्हंयाचे राश्ट्रीयकरण हेवूय गोंयात कोळसो हाडपा खातीर आसा आनी वास्को -बेळगाव रेल्वे रुळाचे दुपदीकरण हेवुय फक्त कोळसो हाताळणी खातीर आसा कारण आमच्या गावांतल्यान जायते म्हामार्ग विस्तार प्रकल्प बांधतात. हे सगले शांतपणान आनी भागांनी करतात, आनी गोंयच्या नागरीकांक काळखात दवरतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	MPT त जावपी कोळसो हाताळणीक लागुन वास्को आनी लागसारच्या वाठारात भरपुर वायु प्रदुशण आनी भलायकेच्यो समस्या जातात. GSPCB न धाडिल्ल्या असंख्य नोटीशीं उपरांतय प्रदुशण उणे जांवक ना. कोळसो हाताळणीतली प्रस्तावीत वाड वास्को, मुरगाव, दाबोळी, चिखली, सांकवाळे, झुवारी न्हंयेचो उत्तरे कडलो कीनारो गोवा वेल्हा ते दोना पावला मेरेन आनी कोळसो येरादारी खातीर वापरपाच्या रेल्व रुळ आनी म्हामार्गाच्या बाजुचे गांव हया वाठारातले वायु प्रदुशण व्हडा प्रमाणात वाडतले. न्हंयच्या तळाचे ड्रेजींग केल्ल्यान गोंयच्या नाजुक नुस्तेमारीवेलो परिणाम आपत्ती कारक आसतलो, बेन्थीक पर्यावरणाचो -हास जातलो जाचेर सागरी जीवन तिगुन आसा. GCZMA च्या तज्ज वांगड्यांनी हया संबंधान गंभीर हुस्को उक्तायला. खारीवाडो, बायणा, देस्तेरो, झुवारी न्हयचे मुख आनी बेतुलातल्या नुस्तेकार समुदाया कडल्यान सुरवात जावन गोंयातले नुस्तेकार पुरायपणान विस्थापीत जातले, जांका कोळसो हाताळणीक वाट करुन दिवपाक सक्ती केल्या. कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन गोंयातले समुद्र, न्हंयो, वायु आनी भूंयेचे प्रदुशण जातले जाका लागुन व्हडा प्रमाणात दुयॅंसा आनी मरण येतले. आमचे राष्ट्रीय अर्थकारण, पर्यटन आनी हेर अर्थवेवस्थेक मार बसतलो आनी गोंयात अर्थीक आनी सामाजीक पडझड जातली. फावर केल्ल्यो कॉर्पोरेट कंपनी व्हड फायदो करतल्यो, जाल्यार गोंय आनी गोंयकाराक ताचे मोल फारीक करचे पडतले.	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. NAAQS, 2009 चेर उत्सर्जनाचे संकेंद्रकरणाचो भलायकेचेर परिणाम जाता अशे म्हणप हे चूक. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
iii.	प्रदुशणाची समस्या फक्त मुरगाव तालुक्या पुरती मर्यादीत ना मात ज्या सरभोवतणच्या तालुक्यातल्यान कोळश्याची येरादारी जाता आनी हेर घटक आसात तांचोय आस्पाव जाता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
44. दिनेश डायस, साल्वादोर- द -मुंद, गोंय.		
i.	फॉर्म I: फॉर्म I हे सावथ वेस्ट पोर्ट ली. न MOEFCC खातीर फेब्रुवारी 2015 त तयार केल्लो अर्ज, जांतुत आसा ती म्हायती पुरायपणान चूकीची आनी दिशाभुल करपी आसा. हया दस्ताऐवजा प्रमाण पान 12 आनी 13 चेर, प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या शीमेकडल्यान 15 किमी अंतराम्रेन: a. संरक्षण स्थापना ना (Sr. no. 7)	2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची

	b. दाट लोकसंख्या वा बांधकाम केल्ले क्षेत्र ना (Sr. no. 8) c. हॉस्पीटल, शाळा वा प्रार्थना घरां ना (sr. no. 9). d. महत्वाचे वा दुर्मीळ नुस्तेमारी, पर्यटन स्रोतां आशिल्ले वाठार ना (Sr. no. 10). हांतुत उल्लेख ना. i) ग्रेन्ड जुव्यावेली प्रवाळी ii) धोक्यातल्या वींडो पॅन ऑयस्टराची (menddio)चिखली खाडी, नावसी खाडी सांकवाळी खाडी. e. हे आदीच प्रदुशण वा पर्यावरणीय हानी जाल्ले वाठार. हांतुत वास्को शार वा झुवारी न्हंय हांचो उल्लेख ना जे एमपीटीच्या कोळसो हाताळणी वावराक लागुन भरपुर प्रमाणात प्रदुशीत जाल्यात. फॉर्म I त दिल्ली म्हायती चूकिची आशिल्ल्यान, प्रकल्प रद्द करुंक जाय आनी मान्यताय दिंवपाक जायना.	तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले.
ii.	ईआयए अहवालाचो मसुदो: a. फाटल्या कीतल्याश्याच वर्सात धक्को 5A, 6A आनी 7 (अदानी) आनी 10 आनी 11 (MPT) चेर कोळसो हाताळणीक लागुन प्रदुशण जाल्ल्यान आनी न्यायालयाच्या आदेशाक लागुन बंदर आनी वास्को शारातल्या सरभोवतणच्या वायु दर्जाचेर वर्सभर नदर दवरतात. नोंदी क्षेत्र हे तयार उपलब्ध आसात. मात ईआयए अहवालात सरभोवतणचो वायु दर्जो 4 मार्च 2016 ते 28 मार्च 2016 हया काळातलोच उल्लेख आसा. (i) मान्सुन उपरांतचो काळ मध्य ऑक्टोबर ते नोव्हेंबर, आनी (ii) शींयाळी मोसम डिसेंबर ते फेब्रुवारी हाची म्हायती दिल्ली ना. सगल्या तीनुय मोसमाची म्हायती दिवपी नवो ईआयए अहवाल तयार करुंक जांय.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
	b. MPT वेल्या कोळसो हाताळणीक लागुन वास्को शार आनी थंयच्या निवासी लोकांची भलायकी आनी पर्यावरणाचेर विध्वंसक परिणाम जाल्यात. ईआयए अहवालात मुद्दाम फक्त 5 सरभोवतणच्या हवा दर्जो देखरेख स्थानकांवेल्यो नोंदी मतीत घेतल्यात. प्रदुशणाचे पांवडे मान्यताय प्राप्त मर्यादेत आसात कांय कीते हाची खात्री करच्या खातीर बंदर आनी शारां भोवतणी स्थापन केल्ल्या सरभोवतणच्या हवा देखरेख स्थानका वेल्यो नोंदी मतीत घेंवक जाय आशिल्ल्यो.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्ज्यात केलां.
	c. गोंयच्या उदकांत नोंद जाल्ल्यो नुस्त्यांच्यो प्रजाती. चिखली खाडी, सांकवाळे खाडी, नावसी खाडी प्रकल्प सुवातेच्या 10 किमी अंतरा भीतर आसात. धोक्यातले वींडो पॅन ऑयस्टर्स (Menndeo) ही रानां जीव राखण कायद्याच्या अनुसूची IV तली सरक्षीत प्रजाती हया वाठारात सापडल्या. मात ईआयए अहवालाच्या कोश्टक 3.38 त धोक्यातल्या ऑयस्टराचो मुद्दाम उल्लेक करुंक ना.	सागरी जीवांची वळेरी जांतुत नुस्त्याचो आस्पाव आसा, ती भारत सरकाराच्या नुस्तेमारी खात्या कडल्यान घेतल्या आनी प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.19, पान क्र. 3-72 उपरांत आस्पावीत केल्या. प्रजातींची मुलभूत दस्ताऐवज म्हण वळेरी केल्या. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो

	बंदराच्या वावराच्या विस्ताराक वरवी कोळसो प्रदुशणाक लागुन हया संवेदनशील वाठारावेलो परिणाम मतीत घेतलो ना. हजारांनी कुटुंबा हया ऑयस्टराचे पीक घेतात आनी तांची उपजिवीका धोक्यात आयल्या. त्याचप्रमाण, ग्रेन्ड जुव्या कडल्या (प्रस्तावीत सुवाती कडल्यान 7 किमी, पान 3-6 पळयात) दुर्मीळ आनी मोलादीक प्रवाळींचो उल्लेख ना. प्रदूशणाक लागुन जांचो उणाव कसोय भरुन येवपाक शकना ती प्रवाळीं कायमची नश्ट जातली.	पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. क्षमताय वाड प्रकल्पाच्या अंमलबजावणेक लागुन सागरी पर्यावरणाचेर उल्लेखनीय परीणाम जावपाची शक्यताय ना. ग्रेन्ड जुव्याचेर हालीच प्रवाळीं सापडल्यात हे सत हे ईआयए अहवालात, प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.17.10, पान कर. 3-61 त योग्य रीतीन नमुद केलां. कसलोय तरेचो उल्लेखनीय विपरीत परिणाम जावपाक, ग्रेन्ड जुवो प्रस्तावीत प्रकल्पा कडल्यान समुद्री अंतरान सुमार 10 किमी पयस आसा.
	d. नुस्तेकारांची लोकसंख्या. कोश्टक 3.41 त चिकोळणा, सांकवाळे आदी हे नुस्तेकारांच्या गावां कडेन आडनदर करुन मुरगाव तालुक्यातल्या नुस्तेकार लोकसंख्येक पुरायपणान उणे लेखल्यात, तिसवाडी तालुक्यातले कुडका, काकरा, नावशी, सीरीदाव, गोवा वेल्हा, बांबोळी आदी गांवातल्या लोकसंख्येचो उल्लेख ना.	प्रकल्पाच्या 10 किमी परिघातलो नुस्तेमारी कडेन संबंधीत डेटा, पर्यावरणीय मुलभूत दस्ताऐवज म्हण गॉय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालक, नुस्तेमारी अहवालातल्यान घेतला.
	e. शमन उपाय: अहवालात (पान 4-11) अशे म्हळा की सुको गाळ जाका इंधनाचे मोल आसा, तो गांवातल्या लोकांमदी वितरीत करुंक जाता. आयज मेरेन अशे तरेचो गाळ खंयच्याय गावका-यांक वितरीत केल्ल्याचो अहवाल ना. हाका लागुन आमी असो अनुमान कडुंक शकतात की लगदो समुद्र/न्हंयेत व्हरुन उडयतात.	कोळश्याचो गाळ खळाव्या गावक-यांक वितरीक करप हे सुचोवणेते वक्तव्य आशिल्ले, हे खंयच्या वैधानीक सक्ती खाला अनिवार्य ना. गाळ, जांतुत उदकांत गेल्लो बारीक कोळसो म्हाला वांगडा एकठाय करतात आनी तो रिकामो करतात. आमी हीच पद्धत फुडाराकय चालू दवरुंक शकतात.
	f. कोयराचे उदक तयार जावप ईआयए अहवाल (पान 4-13) म्हणता की कोळश्याच्या साठ्यातल्यान व्हावपी उदक खुप आम्लधर्मी आनी निलबीत आनी विरघळील्ल्या घन आनी अवजड धातुंनी उच्च आसुंक शकता आनी भूजल आनी पृश्ठभागावेले उदक दुशीत करुंक शकता. सद्या मान्सुनात खुपशे व्हावपी उदक पर्यावरणाचे मोल दिवन समुद्रात व्हावपाक सोडला जाची ईआयए अहवालात नोंद ना.	अहवालात केल्ले वक्तव्य हे म्हालातल्यान व्हावपी उदकाचे सामान्य वैशिश्ट्य आसा. मात, हया प्रकरणात गरज म्हण धुल्लाच्या दमना खातीर आनी उजो पालोवपाक कोळश्याच्या म्हालाचेर नियंत्रीत पद्धतीन उदकाची फवारणी करतात. हे उदक म्हालात पुरायपणान शोशुन वता. उदकाची फवारणी /फॉगींग आनी अग्नीशमन वावराक लागुन व्हांवपी उदक तयार जायना. पावसाचे दिस तशेच हेर मोसमातय म्हाल धांपुन दवरतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन व्हांवते उदक तयार जाता जे साठो (स्थायीक) तळ्यात एकठाय करतात, जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.
	g. MPT त धक्को 5A आनी 6A च्या सरभोवतणच्या वाठारात कोळसो/लाकडाच्या कुडक्याक लागुन जावपी उचेंल्या पांवड्यावेल्या प्रदुशणाचो ईआयए अहवालात उल्लेख ना. 5A आनी 6A धक्क्याची क्षमताय वाड वास्को शारांतल्या नागरीकां खातीर सांगुंक नाशील्ले दुख जातले आनी पर्यावरण, नुस्ते स्रोत, आनी खासा करुन झुवारी न्हंयेतल्या नुस्तेका-यांच्या उपजिवीकेक सुधारणा ना जावपा सारखे लुकसाण जातले. MoEFCC न प्रकल्पाक मान्यताय	ईआयए अहवालात, SWPL आवारात करपी वावर आनी तांची प्रदुशण क्षमताय आनी तपशीलवार विद्यमान /प्रस्तावीत शमन उपाय हाचे तांच्या अधिकारणी वांगडा वर्णन केला. हेर धक्क्यांर हेर म्हाल हाताळप हो MPT आनी धक्को/टर्मीनल भाडेकरुंचो अधिकार, जे अधिकृतपणान सांगुंक शकनात.

	दिवची न्हय अशी आमी मागणी करतात.	
45. एडवीन पींटो, साश्ट, गोंय.		
i.	ईआयए अधिसूचोवणी 2006 त पर्यावरणीय मान्यताय मेळोवप गरजेचे आशिल्ल्या वावरांच्या अनुसूचींच्या घटक 7(e) प्रमाण तीन प्रकल्प एक म्हण मानपाक जाय, मात वेगळे प्रकल्प म्हण दाखयल्यात जे मान्य ना.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
ii.	ईआयए चो थळावो मसुदो 10 किमी परिघात येवपी चिखली पंचायत वा सांताक्रुज पंचायतीत उपलब्ध ना आनी प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या संकेतस्थळारुय तो उपलब्ध ना	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
iii.	धक्को 5A आनी 6A च्या वाडी खातीर ईआयए अहवालाचो कोंकणी वा अणकार उपलब्ध करुन दिवपाक GSPCB अपेस आयला जे हेर दोन प्रकल्पां खातीर ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या कलम 2.2 प्रमाण केल्ले.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
iv.	कोळसो विस्ताराचो वास्को आनी सरभोवतणच्या वाठाराचेर जावपी परिणामाचो केल्लो अभ्यास अहवाल GSPCB न लोकांक उपलब्ध करुंन दिवुंक जाय.	प्रस्न आमका विचारुंक ना.
46. अभिजीत डी. साळकर, वास्को, गोंय.		
i.	ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 8 (8.4.2) चो संदर्भ दीता. पोटवाक्य म्हणता की देखरेखी खातीर फक्त तीन AAQM स्थानकांचो प्रस्ताव आसा. फक्त तीन स्थानकां पुरायपणान उणी पडतली आनी दिल्ल्या विहीत नेमांप्रमाण (WHO, 1977) थंय उणोच 12 स्थानका आसपाक जाय.	प्रकल्पाच्या अंमलबजावणीच्या पांवड्यार प्रदूशकांचे संकेंद्रण थारावच्या खातीर तीन AAQM स्थानकां स्थापन केल्यात. क्षमताय वाड प्रकल्पांत मुखेल अशे नागरी काम आसचे ना, फक्त मॅकेनीकल रेट्रेफीटींग आनी ल्हान अनुकुल संरचनात्मक काम करतले. AAQ देखरेख आनी ताचो अहवाल दिवपा खातीर आमी GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितात. तशेच पाळतले वा GSPCB दिता त्या निर्देशांक पाळो दितले.
ii.	नमुनो घेवपाचो काळ आनी वारंवारता अशी आसपाक जाय की डेटातल्यान सांख्यीकी नदरेन विश्वसनीय सरासरी मेळोवपाक शक्य जातले. देखरेख 24 वरां आनी वर्सातले उणेच 104 दिस करुंक जाय.	AAQ देखरेख आनी ताचो अहवाल दिवपा खातीर आमी GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितात. तशेच पाळतले वा GSPCB दिता त्या निर्देशांक पाळो दितले.
iii.	रु. 12 LPA पुरायपणान अपुरो आसा. चलनवाडीक लागुन वर्सा वर्सा प्रमाण वाडी खातीर तजवीज केल्ली ना.	ईआयए अहवालात नमुद केला तो AAQ देखरेखीचो खर्च हो अंदाज आसा. गरजे प्रमाण देखरेखी खातीर अतीरीक्त तजवीज करतले.
iv.	अहवालात बांधकाम सुवातेच्या लागी 3 देखरेख स्थानकां प्रस्तावीत करता. कार्यरत पांवड्यार ती बांधकाम सुवाते लागसार कित्याक आसपाक जाय. वावराक लागुन मार बसपाक शकता त्या सगल्या वाठारात ती फाफसल्ली आसुंक नाका व्हंय.	क्षमताय वाड प्रकल्पांत मुखेल अशे नागरी काम आसचे ना, फक्त मॅकेनीकल रेट्रेफीटींग आनी ल्हान अनुकुल संरचनात्मक काम करतले.

		AAQ देखरेख आनी ताचो अहवाल दिवपा खातीर आमी GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितात. तशेच पाळतले वा GSPCB दिता त्या निर्देशांक पाळो दितले.
v.	नमुनो स्थानकांची देखरेख करपाक यंत्रणांची नेमणुक NGO कडेन दिवची.	AAQ देखरेख आनी ताचो अहवाल दिवपा खातीर आमी GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितात. तशेच पाळतले वा GSPCB दिता त्या निर्देशांक पाळो दितले.
vi.	सरभोवतणच्या हवा दर्जो देखरेखीच्या, CPCB, MoEF, एप्रील 2003 च्या मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण सक्तीच्या नेमांचो उल्लेक ना	AAQ देखरेख NAAQS, 2009 प्रमाण केल्या.
47. वाय. सी. एच. सींग, 12 हेर वांगड्यां सयत		
i.	आमी सगले सावथ वेस्ट पोर्ट ली. सुरक्षे खाला काम करतात. हे आमच्या येणावळीचे मुखेल स्रोत आसा आनी आमच्या सगल्यांची कुटुंबा हे कंपनीचेर निंबुन आसात. म्हणुन ही कंपनी आमका चलपाक जाय.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
48. एम/एस. एस. एस. कंत्राटदार, 18 हेर वांगड्यां सयत		
i.	SWPL बंदराचे प्रदुशण करीना आनी फाटल्या पांच वर्सा परस अदीक काळा सावन काम करता. आमी सगले आनी आमची कुटुंबा आनी भुरगी ह्या बंदर सेवेचेर निंबुन आसात. म्हणुन आमका ही कंपनी चलपाची गरज आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
49. प्रदीप आचरेकर, 5 हेर वांगड्या सयत		
i.	ही SWPL कंपनी सुमार दसका परस अदीक काळासावन काम करता आनी समाजाच्या अर्थीक, सांस्कृतीक आनी शिक्षणीक कामां खातीर मजत करता. आमी ह्या प्रकल्पाच्या फावरान आसात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
50. रवींद्र सींग, 57 हेर वांगड्या सयत		
i.	SWPL सडा गावांतल्या बायलांचे सशक्तीकरण करुंक सक्रीयपणान काम करता. शीवपाचो मशीनां, प्रशिक्षण, फॅशन डिजायनींग उपलब्ध केलां, कुटुंबाक मुळावी उपजिवीका उपलब्ध करुन दिता. आनी फुडाराकय तेंको दिता. आमी वाड प्रकल्पाच्या फावरान आसात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
51. रोमी कुमार गुप्ता, 48 हेर वांगड्या सयत		
i.	SWPL न शाळांतल्या विद्यार्थ्यांक शिक्षणीक समान जशे की पुस्तकां, बांक, कंप्युटर्स, शाळेची इमारत आदी उपलब्ध करुन दिला. फुडारातय अश्या वावराक ते मदत करतले.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.

52. श्री प्रदिप सरोज, 10 हेर वांगड्या सयत		
i.	धक्को 5A आनी 6A च्या प्रस्तावीत विस्तार प्रकल्पातल्यान कितली रोजगार निर्मीती जातली. थळ्याव्या लोकांक प्राधान्य दिवपाची आमी मागणी करतात. कंपनी मान्य करता जाल्यार आमका कसलोच आक्षेप ना.	SWPL टर्मीनलांत सद्या काम करतात त्या वइ 400 कामगारांतले 60% कामगार गोंयकार आसात. प्रकल्प गटांत पडता तांतुत प्रस्तावीत क्षमताय वाडीची अंमलबजावणी केल्या उपरांत रोजगारांत उल्लेखनीय वाड जावची ना.
53. श्रीकांत 54 हेर वांगड्या सयत		
i.	SWPL फाटली 12 वर्सा काम करता आनी म्हाल हाताळता आनी उदरगतीच्या कार्यावळी खातीर काम करता. • कंपनीन अंगणवाडी बांधल्यात, म्हणुन आमी प्रकल्पांच्या फावरान आसात. • शाळांत तांणी शिक्षणीक सामान आनी भुरग्यांक पुस्तकां दिल्यात, म्हणुन आमी ह्या प्रकल्पांच्या फावरान आसात. • आमका रोजगार मेळला आनी म्हणुन आमची अर्थीक स्थीती सुधारल्या. म्हणुन आमी ह्या प्रकल्पांच्या उदरगतीच्या फावरान आसात. • शारांत हॉटेलां, कामगारां खातीर भाड्याची घरां, भाड्याच्यो सुवातो अशे तरेचो धाकलो अर्थीक तेंको कंपनीच्या वावराक लागुन तयार जाता. म्हणुन आमी विस्तार प्रकल्पाक तेंको दितात. • कर्मचारी आनी कंपनी आमची वाहनां भाड्यान घेता, म्हणुन बरे पैशे मेळतात. म्हणुन आमी ह्या प्रकल्पाच्या पुनर्वावराक तेंको दितात. • शाळां आनी शारांनी कंपनीन नितळसाण कार्यावळी खातीर फुडाकार घेतला. कोयराचे डबे उपलब्ध करुन दिल्यात, शौचालयां बांधल्यात. म्हणुन शाराची नितळसाण आनी सौदर्य वाडला. • कंपनी कामगारांक वयक्तीक संरक्षण उपकरणां उपलब्ध करुन दिता, कामगारांच्या भलायकेची तपासणी करता, प्रदुशणाचेर नियंत्रण हाडता. म्हणुन प्रकल्पाच्या फावरान आसात. • आमी हे कंपनीक तेंको दितात कारण नव्यो भरती तयार जातल्यो. • आमची मागणी आसा की कंपनीन थळाव्यांक रोजगारा खातीर प्रधान्य दिवचे मागीर आमी प्रकल्पाक तेंको दितले.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
54. पवन कुमार, वास्को		
i.	SWPL फाटल्या 12 वर्सा परस अदीक काळा सावन काम करता, जाका लागुन उदरगत आनी रोजगार तयार जाता. आमी हे कंपनी वांगडा खुश आसात, आमका कसलीच हानी ना, हाका लागुन आमका खुप संदी मेळ्ळ्यो.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
55. मदन हळर्णकर, वास्को		

i.	हांव ह्या SWPL प्रकल्पाक तेंको दिता कारण ही कंपनी खुप बरी आसा, फाटली 10 वर्सा वयर काम करता, कंपनी बरी सुवीधा दिता, पगार वेळार दिता.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
56. अरुण कुमार, 5 हेर वांगड्या सयत		
i.	ह्या प्रकल्पाक तेंको दिता. ही कंपनी फाटल्या 5 वर्सा सावन बरे काम करता, सगले अधिकारी बरे आसात, काम सुरक्षीत आसा, सुरक्षेचेर प्रशीक्षण दितात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
57. राजकुमार साव, वास्को		
i.	SWPL क लागुन उदरगत आनी रोजगार तयार जाता. आमी हे कंपनी वांगडा खुप खोशी आसात, आमका कसलीच हानी जांवक ना, हाका लागुन आमका खुप संदी मेळ्ळ्यो.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
58. अव्वन्ना चेदानी, वास्को		
i.	SWPL फाटल्या 15 वर्सा परस अदीक काळासावन कार्यरत आसा, हाका लागुन उदरगत आनी रोजगार तयार जाता. हे कंपनी वांगडा आमी खोशी आसात, आमका कांयच हानी ना, हाका लागुन आमका खुप संदी मेळ्ळ्यो.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
59. जफरुल्लाह शिकालर, वास्को		
i.	हे उदरगतीक आक्षेप ना. SWPL हे MPT तले उत्तम बंदर. गोंयाक महसूल उपलब्ध करुन दिता. CSR खाला कंपनी समाजाक स्वच्छ भारत अभीयानाखाला जायत्यो ब-यो गोश्टी दीता. हे कंपंनीचेर खुपशी कुटुंबा नींबुन आसात म्हणुन हाव कंपंनी वांगडा खोशी आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
60. संजय गोर्वीद घवारे, वास्को **61. संजय महाले, वास्को**		
i.	SWPL फाटल्या 12 वर्सा परस अदीक काळासावन कार्यरत आसा, SWPL क लागुन उदरगत, रोजगार तयार जातात. कंपंनीन अंगणवाडीची उदरगत केल्या, शाळांखातीर उपकरणां, पुस्तकां भेटयल्यात. हे कंपंनी वांगडा आमी खुप खोशी आसात. आमचो हे कंपंनीक विरोध ना.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
62. दिपांकर पावल, वास्को		

i.	श्री दिपांकर पावल हावे पळयला की SWPl फाटल्या 12 वर्सा सावन काम करता आनी गोंय राज्याची उदरगत आनी प्रगती खातीर वावुरता. सकयल दिल्ल्या कारणांक लागुन म्हाका हया प्रकल्पाचेर आक्षेप ना. a) ते बंदराच्या उदरगती खातीर वावुरतात आनी MPT आनी गोंया खातीर महसूलाची निर्मीती करतात. b) वास्को आनी भोवतणच्या वाठारात ते रोजगाक तयार करतात. c) जायते ल्हान सहाय्यक वेवसाय जशे की हॉटेलां SWPL चेर नींबुन आसात. गाडी, बसीच्यो भाड्याच्यो सेवा SWPL चे नींबुन आसात. d) SWPL न CSR त बरो वावर केला. बायणा, बोयदातल्या शौचालयांचे नविनीकरण केलां. e) CSR खाला तांणी सगल्या शाळांक कोयराचे डबे दिल्यात. f) CSR खाला तांणी वास्को शारात उद्यान, हरीत दुभाजक आदींची उदरगत केल्या. g) CSR खाला तांणी खासा गरजेच्या विद्यार्थ्यां खातीर शाळांक खेळपाची उपकरणां दिल्यात. h) CSR खाला तांणी 114 अंगणवाडींक उदक फिल्टर उपकरणां दिल्यात. i) स्वच्छ भारत अभियाना खाला कंपंनी शार वेवस्थीत आनी नितळ दवरता. j) तांचो म्हाल धापिल्ल्या स्थीतीत आनी रेल्वेत वता म्हणुन हावे कसलेच प्रदुशण जाता ते पळयील्ले ना.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
63. संदिप महाले, वास्को		
i.	SWPL फाटल्या 12 वर्सा परस अदीक काळा सावन कार्यरत आसा, हाका लागुन उदरगत आनी रोजगार तयार जाता. हे कंपनी वांगडा आमी खोशी आसात, आमका कांयच हानी ना, हाका लागुन आमका खुप संदी मेळ्ळ्यो.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
64. झीनत खान, सडा		
i.	म्हजो घरकार फाटल्या 9 वर्सा सावन SWPL त काम करता. हाका लागुन आमची उपजिवीका चलता. आमका ही कंपंनी वाडिल्ली जांय.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
65. मोहमद हुंचल, बोगदा		
i.	1 वर्सा सावन SWPL त काम करता. हाव मुळ कर्नाटकांतलो, हाव हांगा कामाखातीर आयिल्लो. हे कंपंनीचेर खुपशी कुटुंबा निंबुन आसात. हाव आनी हे कंपंनीत काम करता तांका सगल्यांक हे कंपंनीची गरज आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
66. शेदा कुमारी, सडा		

i.	म्हजो घरकार SWPL त फाटल्या पाच वर्सा सावन काम करता, जाका लागुन म्हजी भुरगी ब-या शाळेत शिकतात. खुपश्या लोकांची जीण हाका जोडिल्ली आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
67. श्रीकांत शींदे, सडा		
i.	हांव हया SWPL कंपंनीत फाटल्या तीन वर्सा सावन काम करता. सावथ वेस्ट पोर्टात पर्यावरणाची राखण करपाक झुंजा पांवड्यार पांवला उबारतात. सगल्या कामगारांची सुरक्षा मतीत घेतल्या. सगल्या कामगारां खातीर हे बंदर गरजेचे आसा. हया बंदराक लागुन खुपश्या कुटुंबाची उपजिवीका चलता.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
68. बाबलो प्रसाद, वास्को		
i.	हाव आनी म्हज्या कुटुंबातले वांगडी हया बंदराचेर नींबुन आसात. आमी आमचे कुटुंब चलोवच्या खातीर युपी तल्यान हांगा आयल्यात. जर हे बंदर काम करना जाले जाल्यार भारताची वाड आनी उदरगत कशी जातली.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
69. शीवदयाळ, वास्को		
i.	हांव, म्हज्या पुराय कुटुंबातले वांगडी, भुरगी, भाव, आवय, बापुय हया बंदराच्या रोजगाराचेर जगतात. आमी जगपा खातीर युपीतल्यान आयिल्ले. हांव हे कंपंनीचे उपकार मानता. म्हाका म्हज्या देशाची उदरगत करपाक जाय.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
70. कल्याणी मोहकर, बायणा		
i.	सावथ वेस्ट बंदराच्या उदरगतीक लागुन हया वाठारातलो सहाय्यक वेवसाय वाडतलो. गाडयो, चालक आनी ल्हान वेवसाय जशे की हॉटेलां, भाड्याची घरां हांची मागणी वाडतली. हाका लागुन गावक-यांची अर्थीक स्थीती वाडतली. वाठाराच्या उदरगती खातीर आमी हया प्रकल्पाक तेंको दीतात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
71. जी. आर. चोडणकार, वास्को		
i.	फाटल्या 12 वर्सा सावन SWPL काम करता आनी गोंय राज्याची उदरगत आनी प्रगती खातीर काम करता ते हावे पळयला. सकयल्या कारणांक लागुन म्हजो हया प्रकल्पाक विरोध ना. a) ते बंदराच्या उदरगती खातीर काम करतात आनी MPT आनी गोंया खातीर महसुल तयार करतात. b) वास्को आनी लागसारच्या वाठारात ते रोजगार निर्मीती करतात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.

	c) जायते ल्हान सहाय्यक जशे की हॉटेलां SWPL चेर निंबुन आसात, गाडी, बस भाड्याची सेवा SWPL चेर निंबुन आसा. d) SWPL CSR वाठारात बरो वावर करता. बायणा, बोगदा वाठारांतल्या शौचालयांचे नवीनीकरण केलां. e) CSR खाला तांणी सगल्या शाळांक कोयराचे डबे दिल्यात. f) CSR खाला तांणी वास्को शारात उद्यान, हरीत दुभाजक आदींची उदरगत केल्या. g) CSR खाला तांणी खासा गरजेच्या विद्यार्थ्यां खातीर शाळांक खेळपाची उपकरणां दिल्यात h) CSR खाला तांणी 114 अंगणवाडींक उदक फिल्टर उपकरणां दिल्यात i) स्वच्छ भारत अभियाना खाला कंपंनी शार वेवस्थीत आनी नितळ दवरता. तांचो म्हाल धापिल्ल्या स्थीतीत आनी रेल्वेत वता म्हणुन हावे कसलेच प्रदुशण जाता ते पळयील्ले ना.	
72. सुदेश गुंजीकर वास्को		
i.	फाटल्या 12 वर्सा सावन SWPL काम करता आना गोंय राज्याची उदरगत आनी प्रगती खातीर काम करता ते हावे पळयला. वास्को आनी लागसरच्या वाठारात केल्ल्या जायत्या CSR वावराचो हाव भाग आशिल्लो. ह्या दरगतीच्या वावराक म्हजो आक्षेप ना आनी हांव हे संघटने वांगडा खोशी आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
73. वसंत नायक, पंचायत चिकोळणा, बोगमाळो		
i.	आमचे पंचायतीक ह्या भोवशीक सुनावणेची कयलीच म्हायती मेळुंक ना आनी ईआयए अहवालाचो मसुदोय मेळुंक ना. ईआयए अहवालाची प्रत आमका उपलब्ध करुन दिवची अशी विनंती आमी करतात, त्या उपरांत योग्य तारखे वांगडा आमी आमचे म्हण्णे, विचार, आक्षेप, सुचोवण्यो आसल्यार, MoEFCC न थारायिल्ल्या भोवशीक सुनावणेच्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण दितले.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
74. टी. टी. श्रीधरन, वास्को, गोंय.		
i.	प्रस्तावकांनी फावो तीतले लक्ष दिंवक ना आनी वास्को शाराच्या वाठारात कोळसो प्रदुशण नियंत्रीत करपाक फावो तीतली पावलां उबारपाक घाळसाण केल्या.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	प्रदुशणाच्या पांवड्यार नदर दवरपाक प्रस्तावकांनी फावो ती पांवला उबारुक ना. भोवशीक विरोधा उपरांत GSPCB कारवाय केली आनी हाताळणी क्षमताय 5.5 MMT वेल्यान 4.5 MMT इतली केली.	GSPCB च्या निर्देशांक योग्य आनी बेगोबेग आवश्यक पाळो दिल्लो आनी योग्य प्रक्रीया पाळुन प्रस्न सोडयिल्लो.

iii.	कोळसो धुल्लाचे उदकाचे मीश्रण समुद्रात वचपा पासुन आडावपाक प्रस्तावक फावो तीतले आनी योग्य उपाय करीनात. हाका लागुन सागरी जिवीत आनी पर्यावरणाचे भरुन ना येवपी नुकसाण जाता.	पावसाचे दिस तशेच हेर मोसमातय म्हालाचो धापिल्ल्या स्थीतीत साठो करतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन व्हावपी उदक तयार जाता जे साठो (स्थायीक) तळ्यात एकठाय करतात, जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.
iv.	प्रस्तावकांनी तांचो प्रकल्प 5000 MT अमोनीया साठो टाकयेच्या सामको लागी स्थापीत केला, जाका लागुन मुरगाव तालुक्याक गंभीर धोको उप्रासला. म्हणुन वाडीव क्षमताय हाताळणी प्रस्तावीत ना.	क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण MSIHC नेम, 1989, (दुरुस्ती 2000) प्रमाण कसलोच धोकादायक म्हाल हाताळपाचो प्रस्ताव ना. सद्याच्या आनी प्रस्तावीत वावराक लागुन ऑफसायट घडणुको, (SWPL वाठाराच्या शीमेच्या भायर परिणाम जावपी) जावपीची शक्यताय ना.
v.	वयर दिल्ले सादरीकरणाक हानी करीनास्तना, जर संबंधीत अधिकारणी असो निश्कर्श काडता की प्रकल्प सद्याच्या क्षमतायेच्या पांवड्यार वा वाडीव पांवड्यार कोळसो हाताळणी चालु दवरुंक सोदता जाल्यार सकयल दिल्ले सुरक्षा उपाय प्रस्तावीत आसात.	
	a. मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठान 24.02.2012 दिसा दिल्लो निवाडो मुरगावांतल्या कोळसो हाताळणीक पुरायपणान लागु जाता आनी म्हळ्यारच कोळश्याचो वावर धापिल्ल्या परिस्थीतीत करुंक जाय.	मान्य आसा. टर्मीनलाचेर कोळश्याचो म्हाल सदाच धांपिल्लो आसता आनी फुडाराकय तशेच करतले.
	b. कार्यकारी सारांशाच्या शमन उपायां प्रमाण: वायु प्रदुशण, कोळसो 12 मी. उंचीचेर साठयतले, जाची देंवती 35 डिग्री आसतली. अशे सादर करतात की निर्देशा प्रमाण, GSPCB न कोळश्याच्या साठ्याची उंचाय 5 मी मेरेन मर्यादीत दवरल्या.	टर्मीनलांत कोळश्याच्या धुल्लाच्या उत्सर्जनाचे नियंत्रण करुंक SWPL न साठ्याची योग्य उंची आनी 12 मी उंचीच्या वींड शिल्डा वांगडा धापिल्ल्या साठ्याचेर भर दीला.
	c. उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण स्वतंत्र आनी नामनेच्या यंत्रणेच्या नियुक्त्यां खातीर प्रदुशणाच्या पांवड्याचेर, कोळसो साठ्याच्या उंचीचेर, हाताळणीच्या पद्धतीचेर, लोडींग आनी अनलोडींग वावराचेर नेमान नदर दवरप अस्तीत्वांत आसप आनी बंधनकारक आसा.	आमी हया संबंधान GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितले.
vi.	MPT च्या मानादीक अध्यक्षांनी म्हणील्ले की सुमार 100 क्रुज जहाजां मुगाव हार्बरात हाडपाचे ते यत्न करतात. इतले व्हडले पर्यटक, जहाजांचे कॅप्टन कोळसो प्रदुशणाचेर नाराज आसात. म्हणुन हाचो पर्यटन वेवसायाचेर परिणाम जातलो.	MPT केल्ल्या धक्को वाटपा प्रमाण क्रुज टर्मीनल आनी आमच्या वावराचे सहअस्तीत्व आसा.
vii.	प्रस्तावक आनी हेर कोळसो कंपन्यांनी कोळश्याच्या प्रदुशणाची बाधा जाल्ल्या लोकांक वैजकी मजत करपाक जाय.	आमी CSR वावर प्रमाणिकपणाच्या हेतून करतात. थळाव्या रहिवाशींच्या सगल्या साधनसुविधा आनी हेर गरजां खातीर सहकार्य करपाक आमच्या क्षमताये प्रमाण आमी उत्तम काम करतले.
75. वास्कोतले सगले नागरीक		
i.	20.03.2017 दीसा थारायील्ल्या भोवशीक सुनावणेची सुवात अदीक लोकांक आस्पावन घेवपाक बदलल्या.	NA
76. डॉम्नीक नोरोन्हा, साश्ट, गोंय		
i.	हो प्रस्ताव, प्रस्तावीत कोळसो टर्मीनलाक आक्षेप म्हण मानचो अशी विनंती. दांडवाडो शीर्ली, साश्ट गोंय, पंचायतीत संमत केल्लो थाराव.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिंवक ना.

ii.	गोंय ह्या सुंदर राज्याची वेगळी वळख ते नश्ट करतले. हाका लागुन लागसरच्या वाठारात हानीकारक वास आनी घटक जातले. रस्तो येरादारी, कार्गो ऑपरेशन्स, जहाजांची येरादारी, कोयर आदी हांका लागुन आवाज आनी कंपना निर्माण जातात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवंक ना.
77. सावीयो, कोरीया, मांगोर हील, वास्को.		
i.	ईआयए अर्धवट आनी अपुरो आसा. हांतुत मुरगाव बंदरावेल्या हेर कोळसो आनी लोह खनीज हाताळणी वावरा कडेन दुर्लक्ष केलां आनी पर्यावरण आनी पर्यावरण शास्त्राचेर जावपी एकठाय परिणाम मतीत घेवपाक अपेस आयला आनी दुर्लक्ष केलां.	ईआयए अहवालात SWPL च्या आवारात जावपी वावर आनी तांची प्रदूशण क्षमताय आनी सद्याचे /प्रस्तावीत शमन उपायांचे विस्तारान वर्णन केलां. हेर धक्क्यांचेर हेर म्हाल हाताळप हो MPT चो अधिकार. त्या भायर, प्रकल्प क्षेत्रात सरभोवतणच्या हवेच्या दर्ज्याची देखरेख जायत्या स्थानकांचेर जाता. ह्यो नोंदी बंदराच्या आवारातल्या वावराची एकठाय नोंद दिता आनी ईआयए अभ्यासा खातीर आधाररेखा तयार जाली जी AAQ मानकांच्या मान्यताय प्राप्त मर्यादेंत आसा. आधारभूत पर्यावरणीय देखरेख MPT वाठारातल्या हे सद्याच्या उद्देग/वावरांतल्यान जावपी प्रदूशणाचे योगदान मतीत घेता. मापदंडांच्या देखरेखीच्यो सुवातो अशे तरेन वेंचल्यात की वाठारातल्या वेगवेगळ्या स्रोतांतल्यान जावपी प्रदूशणाची मेंजणी जाता. वेगवेगळ्या पर्यावरणीय मापदंडांच्या नमुनो सुवातांचो तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यांत दिला.
ii.	PP न महत्वाचे पर्यावरणीय तथ्य चुकीचे पद्धतीन सांगला आनी दामुन दवरला. आनी EAC कडेन व्हडा प्रमाणात फटींगपणा केल्यात. a. परिशिश्ट I फॉर्म I वा ईआयए अहवालाच्या मसुद्यात धक्को 7 चेर दुसरो कोळसो हाताळणी टर्मीनल आसा ह्या दीशी कुजबुज लेगीत ना. b. परिशिश्ट I च्या फॉर्म 1 च्या पॅरा 9 त आनी फॉर्म I च्या पॅरा III अ. क्र 11 त महत्वाचे सत पुरायपणान दामुन दवरला आनी चुकीचे पद्धतीन सांगला. परिणामी सद्याच्या कोळसो हाताळणी वावराचो. PP न विस्तार केल्या उपरांत धक्को क्र. 7 आनी सद्याच्या/प्रस्तावीत वावराचो, पर्यावरण आनी पर्यावरण शास्त्राचेर एकत्रीत परिणाम ईआयए त मतीत घेतलो ना. c. त्या व्यतीरिक्त, लोह खनीज धक्को क्र. 9 सामान्य म्हाल धक्को 10 आनी 11 जंय लाकुड जिप्सम आनी हेर वावराचो एकत्रीत परिणाम फॉर्म I आनी ईआयए अहवालात दामुन दवरला. d. प्रस्तावीत प्रकल्पाचो पर्यावरणीय परिणाम मेजपाक स्पश्टपणान संरचनात्मक अपेस आयला. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या परिशिश्ट ऍ च्या फॉर्म I पॅरा 9 प्रमाण ते सक्तीचे आसा. e. विहीत अर्जाचो फॉर्म I त दिल्ल्या म्हायतीच्या आधाराचेर EAC न ToR निश्चीत केल्ले, म्हणुन दामुन दवरील्ले महत्वाचे सत आनी दिल्ली चुकीची म्हायती ह्या प्रकरणाच्या मुळामेरेन आसा. PP न हे खबर आसून, मुद्दाम आनी वायट हेतान केला आनी EAC कडेन फटींगपणा केल्यात. म्हणुन हाव अशे म्हणता की, वयर दिल्ली महत्वाची म्हायती दामुन दवरली आनी चुकीची म्हायती	a. उपकार करुन 84(i) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात. b. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. आधारभूत पर्यावरणीय देखरेख MPT वाठारातल्या हे सद्याच्या उद्देग/वावरांतल्यान जावपी प्रदूशणाचे योगदान मतीत घेता. मापदंडांच्या देखरेखीच्यो सुवातो अशे तरेन वेंचल्यात की वाठारातल्या वेगवेगळ्या स्रोतांतल्यान जावीप प्रदूशणाची मेंजणी जाता. वेगवेगळ्या पर्यावरणीय मापदंडांच्या नमुनो सुवातांचो तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यांत दिला. c. उपकार करुन 84(i) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात d. उपकार करुन 84(ii.b) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात e. आमी EC ची प्रक्रिया ईआयए अधिसूचोवणी, 2006 (दुरुस्त) प्रमाण केल्या, जांतुत सगली सादरीकरणां पारदर्शक पद्धतीन केल्यात. आरोप केला त्या प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात, EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणे कडल्यान खंयचेय सत वा म्हायती

	दिल्ल्याचे नदरे मुखार दवरुन, नवो विस्तार /ToR चो प्रस्ताव EAC न मतीत घेवचो आनी त्या परांत नवी भोवशीक सल्लोमसलतीची प्रक्रीया घेवची.	लिपोवपाचो यत्न करुंक ना.
iii.	ईआयए अहवालाचो मसुदो अपुरो आसा, कारण निश्चीत TOR मतीत घेवप हांतुत वगळला, म्हळ्यारच वारो आनी जीओ भार कार्यक्षम आशिल्ल्या, जीओडेसीक वा अणुवृत्त आकाराच्या घुमटी वांगडा धापिल्ल्या साठो शेडीच्या शक्यतायेवेलो अभ्यास सादर करुंक; a. ईआयए अहवालात धापिल्ल्या साठो शेडीच्या शक्यतायेचेर अभ्यास दिश्टी पडना ना आनी ईआयए अहवालाचो मसुदो ह्या गंभीर TOR चेर मौन आसा. b. PP जयगड बंदराचेर 15 MMTPA कोळसो हाताळणी सुवीधा चलयता जंय 105 x450 मी धापिल्लो कोळसो साठो आसा. c. ज्या वाठारात भरपुर उश्णकटीबंधीय पावस पडता वा लोकसंख्येच्या केंद्रात कोळश्याचो उक्तो साठो समस्याकारक आसता, थंय साठो धापुंक जाता - देखीक साठो घुमटी वा सीलो. घुमटी वा कोठीच्या प्रकारचो बंद कोळसो साठो हो खुप आदर्श धुल्ल विरोधी उपाय. PP च्या प्रकल्पाचेर अशे तरेची सुवीधा, कोळश्याचे बारीक कण वा-याक लागुन उडपाचे आडायतले, मान्सून काळात उर्जा उत्पादन खर्च उणो करुन, मान्सून काळात कोळसो ओलो जावपा पासून आडावन, सुकोवपाचो व्हडा प्रमाणात खर्च वाटोवन, कोळसो साठ्याचेर फावारणी करपाचो उदकाचो वापर व्हडा प्रमाणात उणो करुन हे फायदेशीर थारतले. PP च्या मुरगाव बंदरावेल्या विस्तार प्रकल्पात अशे तरेचो धापिल्लो कोळसो साठो उपलब्ध ना करपा फाटले कारण किते आसा? हांव अशे म्हणता की PP क तांच्या ईआयए चो परतुन विचार करुन आनी वयर दिल्ले ToR (म्हळ्यारच, जीओडेसीक वा अणुवृत्त आकाराच्या घुमटेत धांपिल्लो कोळसो साठो) आस्पावीत करपाचो निर्देश दिवप योग्य थारतले आनी पुनर्मुल्यांकन परत भोवशीक सल्लोमसलती खातीर, त्या उपरांत छाननी खातीर दवरचे.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त दिला त्या प्रक्रिये प्रमाण ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचेर आधारुन भोवशीक सुनावणी आसा. भोवशीक सल्लोमसलत प्रक्रियेत मेळिल्ल्या वक्तव्यांचेर आदारुन ईआयएक निमाणे रुप दितले आनी कसलोय उणाव आसल्यार, तो फावो ते तरेन पयस करतले. a. पुर्व-अभियांत्रीकी धापिल्ल्या संरचने खातीर अभियांत्रीकी व्यवहार्यता चालू आसा, ही क्रियाशील सुविधा आशिल्लयान, धांपिल्ल्या शेडीची कार्यवाही आनी उबारणी करपाक आव्हाना आसात. हे EAC, MoEFCC क ईआयए सादरीकरणा वेळार दितले आनी ताचे बांधकाम व्यवहार्यता आनी MOEFCC च्या मान्यताये प्रमाण करतले. खरे म्हळ्यार जयगड सुविधा आदर्श म्हण हेर बंदरांचेर पाळतात. आमी EAC, MoEFCC च्या निर्देशांक पाळो दितले. b. निरीक्षण ह्या प्रकल्पा कडेन सुसंगत ना. c. सुचोवणी आनी निरिक्षणां योग्य भावनेन घेतल्यात आनी धांपिल्ल्या शेडीच्या डिजायनाच्या अभ्यासात वापरतले. मात, सद्याच्या वावरात म्हाल धापिल्लो आसता अशे आमी परतुन सांगतात, क्षणीक उत्सर्जन तयार जावपाच्यो सगल्यो शक्यताय योग्य, उद्देगान मान्य केल्ले /नेम आनी प्रभावी पद्दतीनी (धापप, फवारणी, धापिल्ले वाहक, बंद हस्तातंरण टॉवर, अशे तरेचे.) सोडयल्यात. ह्या व्यतीरिक्त, सध्याच्या वावरात भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.
iv.	ईआयए अभ्यास अपुरो आसा, कारण रेल्वे डब्यांनी कोळश्याच्या येरादारी वेळार जावपी पर्यावरणीय परिणामां कडेन तो पुरायपणान आडनदर करता. a. ईआयए अहवालात अशे म्हळां की म्हालाची येरादारी पुरायपणान रेल्वे डब्यांनी जातली, मात कर्नाटकांतल्या विजयनगरातल्या JSW स्टील कारखान्या मेरेन रेल्वे मार्गान कोळशाची येरादारी करतना जातल्या पर्यावरणीय परिणामां कडेन अभ्यासात पुरायपणान दुर्लक्ष केलां. b. हांव वास्को रेल्वे स्थानकाच्या सुमार 700 मिटर SW वाठारात आनी SWR BG रेल्वे लायनीच्या 530 मिटर अंतराचेर रावता. हांव आनी म्हजे कुटुंब फाटल्या दसक भरांत कोळश्याची येरादारी करपी रेल्वे डब्यांतल्यान जावपी धुल्लाचे उत्सर्जन सोसतात. c. मुरगांव बंदर ते लोंढां मेरेनच्या BG रुळाचे दुपदरीकरण करपाचो प्रस्ताव आसा जाका लागुन हो	निरीक्षण समा ना. a. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न

	मार्ग "कोळसो कॉरीडॉरात" रुपांतरीक जातलो. d. मुरगांव बंदर ते तोरानगल्लु कर्नाटका मदले अंतर सुमार 415 किमी आसा आनी प्रस्तावीत वाडीक लागुन वास्को -ते वास्को फेरयेचो वेळ 6 वरां सयत दर दीसा 12 - 15 रॅकांची येरादारी जातली. कोळसो ट्रेनींच्या हालचालींक लागून, गाडयांच्या उक्त्या पृष्ठभागाक लागून, परजीवी कोळसो आनी वाहनांतल्यान फैलाव जाल्ल्यान कोळश्याचो धुल्ल रेल्वे कॉरीडोरात आनी त्या वाठारात फाफसतलो. e. कोळश्याचो धुल्ल आनी कण रेल्वे कॉरीडोरांतल्यान सरभोवतणच्या समुदायाचेर फाफसतलो त्या वीशी ईआय़ए अहवालात कसलोच डेटा ना. AAQ मानक आनी रेल्वे कॉरीडॉराची देखरेख करुन ताचे मुल्यांकन करुंक जाय. PP न हवा बोगदो अभ्यास, ताडपत्रीतल्यान धुल्ल फाफसोवपाचो आकडो, उंचाये कडेन संबंधीत वायुगती शास्त्र आनी भाराची मांडणी हांचेर अभ्यास करुंक ना. f. डीजलाच्या वापराक लागुन ट्रेनीं, कणांचे (PM 2.5) उत्सर्जन करतात, तशेच आवाजाचे प्रदुशण जाता. रेल्वे लायन अस्तंत घाटांतली संरक्षीत रानां आनी संरक्षीत वाठारातल्यान धांवता. कोळश्याचो धुल्ल लागसारच्या झाडांच्या पानांचेर बसतलो आनी तांच्या फोटोसींथेसीस क्षमतायेचेर परिणाम जातलो. g. वाड जाल्या उपरांत दर दीसा 12 - 15 रॅक्सांची कल्पना ईआ़यए अभ्यास मुसुद्यात केला, सद्याचे हेर आनी प्रस्तावीत MPT विन्मुख रेल्वे येरादारी मतीत घेवन रेल्वे येरादारीचेर एकठाय जावपी परिणामांचे विश्लेशण करुंक ना. h. पर्यावरणीय प्रदूशणा वांगडाच, रेल्वे रुळ हुंपपी रस्तो येरादारी आनी पादाचारी हांचेर जावपी परिणाम मतीत घेतलो ना. वाडील्ल्या रेल्वे येरादारीक लागुन फाटक आशिल्ल्या रेल्वे क्रॉसींगाचेर परत परत ब्लॉक जावन गर्दी जातली आनी ताका लागुन थळावी लोकसंख्या, वेवसाय आनी आपत्कालीन सेवांचेर परिणाम जातलो. i. अभ्यासात अशे निश्पन्न जाला की 0.05% ते 1% कोळसो येरादारी वेळार शेणता. हे प्रमाण येरादारीचो प्रकार आनी फेरयेच्या अंतराचेर निंबुन आसता, मात देशभरातली सगली कोळश्याची येरादारी मतीत घेतल्यार हे प्रमाण खुप जाता. विस्तारा उपरांत फक्त PP च्या वावरांतच एमपीटी ते तोरानगल्लु रेल्वे रुळा मजगती 415 किमी रेल्वे लायनींत दर वर्सा 130000 MT कोळसो/कोक शेणुन ताचो फैलाव जातलो. अंशीक शमन उपाय म्हणुन, निमाण्या EIA/EMP त सकयल दिल्ले उपाय मतीत घेवचे अशे हांव सुचयता. a. कोळश्याचो धुल्ल भायर पडचो न्हय म्हण धातु वा फायबरग्लास धांपणी कोळश्याच्या गाडयांक बसोवची. योगायोगान कोळसो येरादारीत ही संसारातली सगल्यात उत्तम कृती म्हण मानतात. गोंयाक संसारातल्या उत्तम कृतीचो अधिकार आसा, ताडपत्री ह्या दुय्यम श्रेणीच्या उपायाचो न्हय.	संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. रेल्वे येरादारी हो चालू वावर. क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण अतिरीक्त म्हालाची हाताळणी आस्पावन घेवपा खातीर विस्तराची गरज ना, कारण अतिरीक्त म्हाल हाताळपाक सद्याची साधनसुविधा फावो तितली आसा. b. कोळसो धांपिल्ल्या रेल्वे डब्यातल्यान येरादारी करतात. ट्रेनीचे डबे धांपपाचो वावर लोडींग वावरा उपरांत बेगोबेग आनी आपचलीत रितीन पुरायपणान दोरीन सुरक्षीत करुन इन-मोशन वाहन लोडींग यंत्रणा वापरुन करतात, हाका लागुन कलसोय म्हाल भायर करपाची कसलीय शक्यताय उरना. हो शून्य- आडवाद आनी शून्य चुक वावर, जो प्रकल्पाचे प्रस्तावक पुराय कडकपणान करतात. c. SWPL वरवी रेल्वे रुळाचे दोट्टीकरण करपाचो प्रस्ताव ना. मालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुविधेत आस्पावन घेवपाक जाता. d. कोळसो धांपिल्ल्या रेल्वे डब्यातल्यान येरादारी करतात. ट्रेनीचे डबे धांपपाचो वावर लोडींग वावरा उपरांत बेगोबेग आनी आपचलीत रितीन पुरायपणान दोरीन सुरक्षीत करुन इन-मोशन वाहन लोडींग यंत्रणा वापरुन करतात, हाका लागुन कलसोय म्हाल भायर करपाची कसलीय शक्यताय उरना. हो शून्य- आडवाद आनी शून्य चुक वावर, जो प्रकल्पाचे प्रस्तावक पुराय कडकपणान करतात. e. उपकार करुन 84(iv.d) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात f. रेल्वेचो वावर भारतीय रेल्वेच्या नियंत्रणात आसा. g. उपकार करुन 84(iv.a) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात h. सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी ना. प्रस्तावीत म्हालाची येरादारी, सद्याच्या रेल्वे रेळाच्या अतिरीक्त क्षमताये वरवी ताच्या विस्तारा बगर करतले. i. उपकार करुन 84(iv.d) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात a. कोळश्याची वाहना जीओटेक्स्टायल /लवचीक पोलीथीन चादरांनी धांपप हे सार्वत्रीक, उद्देगान मान्य केल्ले /नेम आनी प्रभावी पद्दत आसा. धापिल्ल्या वाहनांतल्यान उत्सर्जन जावपाची

	b. उरिल्लो कोळसो परत मुरगाव बंदरात वचपा पासुन आडावपाक परावलंबी भार पुरायपणान काडप आनी अनलोडींगा उपरांत कोळसो गाडयो नितळ करप/धुवप. c. AAQ देखरेख स्थानकां रेल्वे कॉरीडॉरा बरोबर गोंय SPCB स्थापन केल्यात, आनी ताचो खर्च PP न करप. d. रेल्वे रुळावेल्या फाटक आशिल्ल्या सगल्या मुखेल रस्तो क्रोसींगाचेर उड्डाण पुलांचे बांधकाम.	शक्यताय ना. तशेच, उपकार करुन आमचो 84(iv.d) क दिल्लो प्रतीसाद पळयात. b. रोलींग साठ्याचेर आमचे कांयच नियंत्रण ना कारण तो भारतीय रेल्वेच्या मालकीचो आसा. साठो तांच्या मुक्कामार वाहन-टिपलींगावरवी रिती करतात, जाका लागुन कसलोय बाकी म्हाल उरपाची शक्यताय नासता. म्हळा तशे परजीवी माल, आसलो जाल्यार वाहनाच्या पोंदा पडुन उरुन वायु उत्सर्जन जावपाची संभावना ना. c. प्रस्न आमका विचारुंक ना. d. रेल्वेचो वावर भारतीय रेल्वेच्या नियंत्रणांत आसा.
v.	दर दीसा 7 लाख लीटर उदकाची पुरवण करपाच्या स्रोताच्या वाठारात उदकाचो ताण ईआयए त अभ्यासूंक ना: a. अर्ज फॉर्म I त पुराय ऑपरेशनात 7 KLD ची अपेक्षा उक्तायल्या जी गोंय PWD च्या सद्याच्या वाटणीतल्यान पुराय करतले. ईआयए अहवालाच्या मसुद्यात कोश्टक 4.4 त वाडी उपरांत उदकाचो वापर 5 KLD म्हळा जो सध्या 3.1 KLD आसा. प्रस्तावीत प्रकल्पा खातीर उदकाचो वापर 625 थळाव्या घराब्यांची दिसपट्टी गरज पुराय करपाक फावो तीतली आसा. b. ईआयए अहवालात हया मोलादीक सामाजीक स्रोतां कडेन पुरायपणान आडनदर केल्या आनी वाठारातलो उदकाचो ताण वा PWD च्या पुरवणे वेलो ताण मतीत घेवपाक अपेस आयला. c. सांड उदक प्रक्रीया सुवीधा, उदकाचो पुनर्वापर, उदकाचे संवर्धन आनी भूजल परत भरपाक पावसाच्या उदकाचो साठो हांचो तपशील आस्पावीत करुंक ना. d. राज्यांच्या जायत्या वाठारात उदकाचो भरपुर उणाव आसा आनी टेंकरा वरवी उदकाची पुरवण करची पडता. कर्नाटकांत येरादारी करपा खातीरच्या कोळश्याच्या साठ्याचेर फवारणी करुंक हे जांय.	a. धुल्ल दमना खातीर प्रस्तावीत 700 kld उदकाचे अपेक्षीत प्रमाण फॉर्म 1 त नमुद केल्ले. ईआयए अहवाल, प्रकरण 5, विभाग 5.3.2, पान क्र. 5-15 त प्रमाणात 500 kld इतली सुधारणा केल्या. बंदर टर्मीनलाचेर सद्या MPT च्या STP कडल्यान 200-250 kld प्रक्रीया केल्ले सांड उदक वापरता. बायणात PWD च्या कार्यरत आशिल्ल्या 2300 kld CETP कडल्यान धुल्ल दमना खातीर उदकाचे अतीरिक्त प्रमाण घेवपाचो प्रस्ताव आसा. म्हळ्यारच खंयच्याय प्रतीस्पर्धी वापरकर्त्याकडेन उदक घेवचे ना. b. वयर केल्ल्या आमच्या वक्तव्या उपरांत हे निरीक्षणाचो संबंध ना. c. विस्तारीत जल संतुळन आकृती ईआयए अहवाल, प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5.3.2, पान क्र. 5-15 चेर दिला. d. वयर केल्ल्या आमच्या वक्तव्या उपरांत हया निरीक्षणाचो संबंध ना.
vi.	सद्याच्या वावरात PP चे पर्यावरणीय नेमांक पाळो दिंवप निर्शेणेचे आसा. गोंय SPCB EPA 1986 खाला सकयल दिल्ल्या मान्यतायेच्या उल्लंघना खातीर PP निर्देश जारी केल्यात. a. जो मेरेन गोंय SPCB स्रोत विभाजन अभ्यास करीना आनी PP चे सद्याचे कोळसो हाताळणी वावर पर्यावरणीय नेमां प्रमाण आसात हांचे प्रमाणन जायना तो मेरेन फुडल्या विस्ताराक परवानगी मेळची ना. b. फाटल्या दसकांत मुरगाव पत्तन न्यासातल्या सद्याच्या वावराक लागुन जावपी व्हडा प्रमाणातले अमर्यादीत कोळसो कोक प्रदुशण वास्को शार आनी सरभेवतणच्या वाठारात पळयला, हाचो गुन्यावकार PP, सावथ वेस्ट पोर्ट आनी अदानी मुरगाव बंदर टर्मीनल ली. चलयता. c. हो दावो सिद्ध करुंक विधानसभेतल्या तपासातल्या रुपात भरपुर डेटा आसा, सद्याच्या भूरांकुळ वायु प्रदुशण पांवड्यार फुडली भर घालपाक परवानगी दिवपाक ते उपयुक्त थारतले. d. AAQM चो डेटा जोडला जो AAQ मानकांच्या उल्लंघनात आसा. जो अदानी कोळसो टर्मीनलाच्या संयोजनात आसा.	a. GSPCB न दिल्ल्या निर्देशांचे गरजेचे पालन योग्य रितीन आनी बेगोबेग केल्ले आनी योग्य प्रक्रियेक पाळो दिवन प्रकरण सुटावे केल्ले. CPCB न अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. b. ईआयएचो भाग म्हण केल्ले सरभोवतणचे विश्लेशण तशेच हेर नियमीत देखरेख अशे दाखयता की सरभोवतणच्या हवेचे मानक उत्सर्जन नियंत्रण उपाय जाग्यार आशिल्लयान टर्मीनलाच्या वाठारात निश्चीत केल्ल्या पल्ल्यात आसा. c. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवंक ना. d. वक्तव्य PP क निर्देशीत नाशिल्ल्यान प्रतीसाद दिंवक ना.

	e. हाचो परिणाम म्हण, वास्को आनी मुरगाव तालुक्यांतले नागरीक आनी खासा करून आमच्या भुरग्यांक कोळश्याच्या धुल्लाच्या उच्च PM10 पांवड्याच्या प्रकाराक सेगीत संसर्ग जाल्ल्यान हानी जाता आनी गंभीर भलायकेच्या समस्येची बाधा जाता, जांतुत श्वसनाची दुयेंसा, इस्कीमीक काळजाची दुयेंसा आदींचो आस्पाव आसा. तरीय PP चो ईआयए अभ्यास अहवाल अशे दाखयता की PM पांवडो नेमां भीतर आसा. योग्य उदरगती वांगडा प्रदुशण नियंत्रणात दवरपाक कडक उपाय आसपाक जाय. हया परिस्थीतीत गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ स्रोत नियुक्ती अभ्यास हातात घेवपाचो प्रस्ताव दवरता.	e. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.
vii.	प्रकल्पाची सुवात CRZ वाठारात येता. गोंय किनारी वाठार वेवस्थापन अधिकारणीची (GCZMA) मान्यताय, शिफारस मेळविल्ली ना. स्वाभावीकपणान प्रकल्प CRZ अधिसूचोवणी 1991 च्या कार्यक्षेत्रा खाला येता. हे फॉर्म -I पॅरा 1 (मुळावी म्हायती) अ. क्र. 24 तशेच ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्या पॅरा 1.5 आनी 1.7 त मान्य केला. मात, गोंय किनारी वेवस्थापन आधिकारणीची मान्यताय/शिफारसी PP न सादर करुंक ना. अश्यो मान्यताय /शिफारसी भोवशीक सुनावणे वेळार छाननी खातीर मुखार दवरुंक जाय.	CRZ अधिसुचोवणी 2011, (दुरुस्त) खाला CRZ मान्यताये खातीर अर्ज, गोंय किनारी वाठार वेवस्थापन अधिकारणीच्या छाननी खाला आसा. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 (दुरुस्ती) त भोवशीक सल्लोमसलतीचो भाग म्हण CZMA शिफारसी आस्पावीत करपाची तजवीज ना.
viii.	चिखली सांकवाळे खाडी सारख्या जैववीवीधताय दायज सुवाते वेल्या पर्यावरणीय परिणामांचे विश्लेशण करुंक ना: a. प्रकल्प सुवाते कडल्यान उत्तरेक 5 किमी अंतराचेर चिखली सांकवाळे खाडीत जैवविवीधताय दायज सुवातीचे अस्तीत्व PP न दामुन दवरला. PP न अश्या सगल्या पर्यावरणीय संवेदनशील वाठारांची वळेरी अर्ज फॉर्म I च्या पॅरा 9 (III) त दिवपाक जाय, मात पर्यावरणीय नदरेन नाजूक वाठाराचे अस्तीत्व EAC कडल्यान लिपयला. b. गोंय राज्य जैवविवीधताय म्हामंडळान सांकवाळे खाडी "जैवविवीधताय दायज सुवात" म्हण जाहीर करपाचो प्रस्ताव हालीच दवरला. c. CSIR-NIO अभ्यासात अशे दिसून आयला की, चिखली खाडी सागरी जैवविवीधतायेत समृद्ध आसा जंय 200 वयर प्राण्यांच्यो प्रजाती आनी 34 पादक प्लवक (phytoplankton) प्रजाती तशेच चीपांची झाडां आनी मॅक्रोफॉयट्स आसात. d. वींडो पॅन ऑयस्टराचो *Placuna Placenta* चो सैमीक साठो बरे स्थीती आनी संख्येत सापडला. e. हया वींडोपॅन ऑयस्टर *Placuna Placenta* चे अस्तीत्व आनी प्रकल्पाचो हया दुर्लभ प्रजांतींचेर परिणाम, ईआयए अहवालात मतीत घेवक ना, हे कोश्टक 3.28 तल्यान दीसता. f. EAC कडल्यान हे महत्वाचे पर्यावरणीय सत लीपयील्ल्या उपरांत, ईआयए अहवालाच्या मसुद्यात हया पर्यावरणीय नदरेन नाजुक वाठाराची कुजबुज लेगीत ना, प्रस्तावीत वावराचो ताजेर परिणाम आनी अश्या परिणामांचे शमन करपाचे उपाय मतीत घेवपाचे सोडुनच दी.	2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशनाचे अधुनिकीकरण करपाचो हो प्रस्ताव आसा. धक्को /सागरी वटेन कसलोच बदल करपाचो प्रस्ताव ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
ix.	सद्याच्या वावरा खातीर EC त दिल्ल्या अटींच्या अनुपालनाच्या दर्ज्याचो प्रमाणीत अहवाल सादर करपाकडेन PP न दुर्लक्ष केला, जे MOEF पत्रक क्र. F. No. J-11011/618/2010/IA-II(I) तारीख 30.05.2012 खाला सक्तीचे आसा.	अर्द वर्सुकी EC अनुपालन अहवाल MoEFCC RO, बेंगलोर हांगा नेमान सादर करतात. आमी प्रमाणीत EC अनुपालन अहवाला खातीर MoEFCC RO, बेंगलोर हांगा अर्ज केला, आनी

	चालू/सद्याच्या वावरा खातीर RO, MOEFCC न EC अर्ज दाखल करतना EC त घालुन दिल्ल्या अटींच्या अनुपालनाच्या दर्ज्याचो प्रमाणीत अहवाल सादर करपाक PP क अपेस आयला आनी दुर्लक्ष केलां. खरे म्हळ्यार, खंयच्याय सक्षम प्रधिकरणाक PP नेमान अनुपालन अहवाल सादर केल्ल्याची नोंद ना. म्हज्या आरटीआय प्रस्नाक जाप दिवन मुरगाव पत्तन न्यासान म्हाका जून 2016 त लिखीत रुपांत कळयला की तांच्याय कडेन हया संबंधान कसल्योय नोंदी ना.	प्रक्रीया चालू आसा.
x.	PP न आयज मेरेन EC त निर्धारीत जायत्या गंभीर अटींचे पालन करुंक ना. फाटी दीला ताचो विस्तार करतना हांव फुडे तुमचे नदरेक हाडुन दिंवक सोदता की, EC न घालुन दिल्ल्या साबार अटींचे PP न पालन करुंक ना. a. अट (vii) त हेर अटीं वांगडाच दर हेक्टर सुवातेर 2000 ते 2500 झाडांचो हरीत बफर तयार करपाची गरज आसता. अशे तरेचो हरीत पट्टो फाटल्या 16 वर्सांत तयार करुंक ना. b. अट (xi) त हेर अटीं वांगडा पर्यावरण विभागान एकठाय केल्ल्यो नोंदी आनी डेटा योग्य विश्लेशणा वांगडा आनी सुधारणा उपायां वांगडा RO. MOEF, SR, बेंगलुरु हांगा सादर करपाची गरज आसा. c. तशेच, अट xiv प्रमाण PP स म्हयन्याच्या नियमीत कालांतरात सुरक्षेच्या उपायांच्या अंमलबजावणे वीशी मंत्रालयाक कळोवप गरजेचे आसा. वयर म्हळा तशे, भोवशीक क्षेत्र वा नुरगाव पत्तन न्यासा कडेन अश्यो अनुपालन नोंदी उपलब्ध ना.	a. 1400 m^2 (साधारणपणान) चो आस्पाव आशिल्लो हरीत पट्टो जांतुत 700 झांडांचो आस्पाव आसा, प्रकल्प सुवातेर वाडयला. वाठार हरीत करुंक आनी क्षणीक उत्सर्जन धरपाक सगले यत्न केल्यात. b. वायु, उदक, आवाजाचो दर्जो हांची नेमान देखरेख करतात आनी अर्द वर्सुकी EC अनुपालन अहवालाचो भाग म्हण MoEFCC RO, बेंगलोर हांगा सादर करतात. c. स म्हयन्याळो देखरेख अहवाल RO, MoEFCC, बेंगलोर आनी GSPCB धाडतात.
ix.	कोळसो साठो यार्डातले प्रदूशण आनी व्हावपी उदक हांका लागुन जावपी पर्यावरणीय परिणामांचे शमन करपाक प्रस्तावीत उपाय पुरायपणान अपुरे आसात. a. ईआयए त शमन उपाय अहवालाच्या मसुद्याच्या पान 4-11 त कथीतपणान दाखयल्यात, मात कोळसो साठो यार्डातल्यान जावपी प्रवाहाचेर प्रक्रिया करपा खातीर प्रस्तावीत उपाय हे फसवे, फक्त भाकड वक्तव्यां, आनी पुरायपणान अपुरे आसात. ईआयए अहवालात सेटलींग टाकयेची क्षमताय दिंवक ना. हाचे वेल्यान अशे स्पश्ट जाता की, भरपुर पावसाच्या दिसांनी, कोळश्यातले विखारी सल्फर कंपावंडस पावसाच्या उदकाक लागुन व्हावतले आनी पर्यावरणाची हानी करतले. कोळसो वापराच्या क्रमांत कोळश्याच्यो मनीस निर्मीत वस्तू जायत्या पांवड्यार सागरी पर्यावरणात वतात. कोळसो उत्पादन आनी आयात करपी देशांत साठो आनी लोडींग सुवीधा आसा त्या वाठाराच्या लागसार सागरी पर्यावरणात कोळश्याचे भरपुर प्रमाण संभाव्य आसता.	गरज पडता तशे धुल्लाच्या दमना खातीर आनी उजो पालोवपाक कोळश्याच्या म्हालाचेर नियंत्रीत पद्धतीन उदकाची फवारणी करतात. हे उदक म्हालात पुरायपणान शोशुन वता. उदकाची फवारणी /फॉगींग आनी अग्नीशमन वावराक लागुन व्हांवपी उदक तयार जायना. हेर मोसमा वरीच पावसाच्या दीसांनीय म्हालाचो धापिल्ले परिस्थीती साठो करुन दवरतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन धांवते उदक तयार जाता जे साठो (स्थायीक) तळ्यात एकठाय करतात, जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.. विस्तारा उपरांत, टर्मीनलाचेर म्हालातल्यान व्हांवपी उदक तयार जाले जाल्यार ते हाताळपाक 36mx8mx5m आकाराचे डंप तळे सक्षम आसतले.
xii.	निश्कर्श म्हणुन हांव अशे म्हणता की प्रस्तावीत प्रकल्पाचो ईआयए म्हळ्यार काळीमा आनी निश्काळजीपणान, हेतुन आनी बेफीकरीन केला. PP न महत्वाचे पर्यावरणीय सत दामुन दवरला आनी चुकीचे पद्धतीन दाखयला. पर्यावरण संवेदनशील वाठार आनी जैवविवीधताय दायज क्षेत्राच्या अस्तीत्वा कडेन दुर्लक्ष केलां. ईआयए अहवालात गंभीर मुद्याकडेन दुर्लक्ष केला, विश्वसनीयताय ना. रेल्वे डब्यातल्यान कोळश्याच्या येरादारीचे पर्यावरणीय परिणामां कडेन दुर्लक्ष केलां.	WAPCOS हे QCI NABET चे मान्यतायप्राप्त सल्लागार, तांका कीतल्याश्याच प्रकारच्या प्रकल्पांत अणभव आसा. संबंधीत तज्ञांचो सहभाग आनी मान्यतायप्राप्त ToRs च्या चौकटेतल्या कुशळतायेत ईआयए केला.

	EAC न सुवात वा उप पंगडाक भेट दिवची अशे म्हणता आनी सुचयता.	
78. कुस्तोदियो डी सोझा, गोवा अगेन्स्ट कोल, वास्को		
i.	गोंयातल्यान कोळसो आयात करपाचो विचार जाणुनबुजन लिपयला: हो प्रकल्प MPT तल्या कोळसो हाताळणीत कितल्याश्याच पटीन वाडीचो आसा, जाची फुडे कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी आंध्र प्रदेशांतल्या ग्रामीण वाठारात वशीलल्या आनी प्रस्तावीत उर्जा प्रकल्प आनी स्टील प्रकल्पा खातीर येरादारी जातली. म्हणुन, पर्यावरणीय आनी सामाजीक -अर्थीक परिणामाच्या अभ्यासाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीत सकयल्या गोश्टींचो आस्पाव गरजेचो आशिल्लो; a. समुद्र, न्हंय आनी खाडीचे ड्रेजींग b. बंदराचेर धक्क्याचे बांधकाम आनी विस्तार c. बंदर न्यासाचेर कोळसो हाताळणी d. वाडीव कोळश्याची कर्नाटकांत येरादारी करच्या खातीर रेल्वे आनी रस्तो जोडणेचे बांधकाम e. कर्नाटका आनी हेर राज्यांनी प्रस्तावीत स्टील आनी उर्जा प्रकल्प. f. PP न प्रकल्पाचे खरे रुप MoEF कडल्यान लीपोवन पुरायपणान फटींगपणा केल्यात. g. MoEF न हेर प्रकल्पांची म्हायती उपलब्ध आसुनय पुराय प्रकल्प मतीत घेयनास्तना आनी ToR जारी करुन पुराय तरेन चूक केल्या. h. अदानी, JSW आनी हेरां खातीर गोंय हे कोळसो हब करपाचो विचार आसा हे सत सरकारान जाणुन बुजुन लिपयला. i. भारतीय संवीधाना प्रमाण लोकां कडेन सल्लोमसलत करुन सगले नियोजन करप गरजेचे आसा.	a. आधुनीकीकरण आनी परिणाम स्वरुप क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग ड्रेजींग ना. प्रस्तावीत आधुनीकीकरणात ड्रेजींग आसा वा ना, ताचो सद्याच्या उदरगतीचेर परिणाम जायना. b. हया आधुनीकीकरण प्रकल्पा खातीर अतिरीक्त धक्को वा अतिरीक्त बंदराची गरज ना. c. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवंक ना. d. सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्तो येरादारी ना. SWPL वरवी रेल्वे रुळाच्या विस्ताराचो प्रस्ताव ना. म्हालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुवीधेत आस्पावन घेवपाक जाता. e. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवंक ना. f. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. g. उपकार करुन 1(i) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात h. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवंक ना. i. भोवशीक सल्लोमसलत हो ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या EC प्रक्रीयेचो वांटो आसा आनी जनतेच्या मागणे प्रमाण ती घेतल्या.
ii.	पर्यावरणीय कायद्यांचे उल्लंघन करच्या खातीर कामाच्या व्याप्तीचे कुडके: प्रकल्पाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीत सद्या मुरगांव बंदरात ड्रेजींग करप (आनी फुडारात गोंयातल्यो 6 न्हंयो), मुरगांव, साश्ट आनी तिसवाडी तालुक्यांतल्यो जायत्यो नुस्तेमारी सुविधा बळकावप, कोळसो हाताळणी खातीर धक्के आनी जेटी बांदप, सद्या आशिल्ल्या धक्क्यांचो विस्तार/उदरगत, 4 पदरी म्हामार्गाची बांधणी आनी आमचे गांव, आनी अस्तंत घाटातल्यान सावथ-वेस्टर्न रेल्वे रुळाचे दोट्टीकरण हांचो आस्पाव आसा. अशे दिसता की, PP फक्त अभ्यासात धक्को 5A आनी 6A सोडुन हेर संबंधीत कामांकडेन मुद्दाम जावन दुर्लक्ष केला, आनी ईआयए अधिसूचोवणीचे उल्लंघन केलां. प्रकल्प ल्हान ल्हान विभागांत वाटुन घालां, जे स्वता पुरते अर्थशून्य आसा. पर्यावरण, अर्थकारण आनी गोंयच्या समाजावेलो गंभीर परिणाम लिपोवपाचो हो अप्रामाणीक यत्न आनी ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 चे उल्लंघन.	उपकार करुन 1(i), 84(iv.c), आनी 85(i.a) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात

iii.	गोंयच्या नुस्तेमारीचो विध्वंस: गोंया वरवी कोळसो आयातींत वाड करपाची प्रस्तावीत येवजण सागरमाला खातीरच्या निमाण्या अहवालात (खंड V) दिल्या. ह्या अहवालातल्यान हे स्पश्ट जाता की मुरगांव तालुको आनी बेतुल नुस्तेमारी गांवांतलो नुस्तेकार समुदाय ह्या प्रकल्पाक लागुन पुरायपणान विस्थापीत जातलो. मुरगांव बंदरावेले प्रस्तावीत ड्रेजींग मुरगांव हार्बर आनी वास्को खाडी, चिखली आनी सांकवाळे सारख्या सरभोवतणच्या वाठारातल्या नुस्तेमारीचो पुरायपणान विध्वंस जातलो. रस्ते जाळे, कार्यशाळा आनी CFs सुविधांक लागुन बायणांतले नुस्तेमार पुरायपणान विस्थापीत जावपाचो प्रस्ताव आसा. गोंयातल्या अंतर्गत भागात कोळसो हाताळणी व्हरपाक, न्हंयो, जमनी आनी गोंयातल्या अंतर्गत वाठारातल्या गांवांत विध्वंस पातळोवच्या खातीर, 6 न्हंयाचे राष्ट्रीयकरण आनी ड्रेजींग करतात. ह्यो विध्वंसक येवजणों गोंयच्या नुस्तेमारी उद्देगाची पुरायपणान वाट लायतल्यो, वेगळ्या सागरी जीवीताच्या जैववीवीधतायेचो विध्वंस करतल्यो आनी गोंय राज्याच्या सामाजिक अर्थीक वाठाराक हानी करतल्यो.	6 न्हंयाचे ड्रेजींग हे ह्या आधुनीकीकरण प्रकल्पाच्या व्याप्तीत येना. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. तशेच उपकार करुन 85(i.a) दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात.
iv.	नुस्तेमार समुदायाचे विस्थापन: गोंयातलो नुस्तेकार समुदायाक नुस्त्याच्या साठ्याचे लुकसाण, आनी शारीकरणाची वाड, पर्यटन उद्देग आनी मायनींग सारख्या गोश्टींक लागुन तयार जाल्ल्या हेर ह्या सारख्या समस्यांनी ह्या आदीच रेंवाडो घाला, जाका लागुन नुस्तेमारीचो, नुस्तेमारी साधनसुविधा आनी नर्सरींचो विध्वंस आनी प्रदूशण जाला. कोळश्याच्या आयातीतली प्रस्तावीत वाड, ड्रेजींग आनी आवश्यक साधनसुविधांक लागुन गोंयातल्या नुस्तेमार समुदायाचे पुरायपणान विस्थापन जातले. प्रकल्पाचो आवश्यक भाग, ड्रेजींगाक लागुन आनी ह्या आदीच सुरु जाल्ल्या रस्तो बांधकामाक लागुन थेट मार बशिल्ले खारीवाडो, बायणा आनी देस्तेरोतल्या नुस्तेमार समुदायाचे जावपी विस्थापन आनी हानी हाचे प्रमाण दिवपाचो यत्न ईआयए अधिसुचोवणेत करुंक ना. बायणा, देस्तेरो आनी खारीताड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाच्या विस्थापनाची नोंद करुंक EIA अभ्यासात अपेस आयला.	ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. आधुनिकीकरण आनी परिणाम स्वरुप क्षमताय वाड प्रकल्पाचो, ड्रेजींग भाग ना.
v.	कोळसो धुल्लाचे प्रदुशण: वास्को शार, मुरगांव, दाबोळी, चिखली, सांकवाळे, कुड्ाळी आनी दोना पावला मेरेन झुवारी न्हंयेचो उत्तरे कडलो किनारो ह्या आदीच गंभीर कोळसो प्रदुशणाचो त्रास सोसता आनी हे सत GSPCB न जारी केल्ल्या जायत्या कारणां दाखय नोटीस आनी काम बंद कर आदेशावेल्यान मान्य जाता. जायत्यो नोटीसी आनी आदेश जारी करुनय MPT, अदानी, SWPL हांका प्रदूशण आडावप जमले ना. कोळसो आयातीतली प्रस्तावीत वाड ह्या सगल्या अती प्रदुशीत वाठारा खातीर भलायकी आनी पर्यावरणीय आपत्ती थारतली. थळाव्या लोकसंख्येच्या भलायकेचेर आनी पर्यावरणाचेर जावपी परिणाम खबर आसूनय अशे तरेच्या अती प्रदूशीत वाठारात, कोळसो हाताळणी वाडुंक जायना.	GSPCB न दिल्ल्या आदेशांचे योग्य आनी बेगोबेग पालन केल्ले आनी योग्य प्रक्रीयेक पाळो दिवन प्रकरणीचे निराकरण केल्ले. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. क्षमताय वाड पांवड्यार, योग्य APCMs स्थापीत करुन आमी उत्सर्जन मानकांक पाळो दीतले. प्रस्तावीत उत्सर्जन नियंत्रण उपाय प्रकरण 4, परिणामांचे मुल्यांकन आनी शमन उपाय, विभाग

	सद्याच्या कोळसो हाताळणी सुविधांतल्यान जावपी वायु प्रदुशण आडावपाक कितल्याश्याच तेंपाचे अपेस आनी नाईलाजाचे सत PP न मुद्दाम जावन लिपयला. ईआयए अभ्यासात GSPCB न जारी केल्ल्यो नोटीसो, राहिवाश्यांनी कितलोसोच तेंप सोशील्ले धुल्लाचे प्रदूशण आनी ह्यो गंभीर समस्या सुटाव्यो करपाक PP क आयिल्ले अपेस ह्यो गोश्टी मतीत घेवपाक पुरायपणान अपेस आयला.	4.3.4, पान क्र. 4.14 चेर दिल्यात. प्रस्तावीत क्षमताय वाडीक लागुन वायु पर्यावरणाचेर उल्लेखनीय परिमाम जावपाची शक्यताय ना.
vi.	रेल्वेक लागून लोकांचे विस्थापन; • कोळश्याच्या प्रस्तावीत आयातीच्या येरादारी खातरीच सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण प्रस्तावीत आसा. • सद्याचो रेल्वे रुळ गोंयातल्या उच्च लोकसंख्या आशिल्ल्या गांवातल्यान वता आनी थळाव्या समुदायाचे व्हडा प्रमाणात विस्थापन करुन रुळाचे दुपदरीकरण शक्य ना. • रेल्वे रुळा लागसरच्या थळाव्या लोकसंख्येवेलो भलायकी आनी आवाजाच्या प्रदुशणाचो परिणाम व्हडा प्रमाणात वाडतलो. • रेल्वे रुळा लागसरच्या शाश्वत अर्थवेवस्थेची हानी आनी पर्यावरणाचो विध्वंस तीतलोच भयानक आसतलो. • रेल्वे रुळाच्या दुपदरीकरणाक लागुन अस्तंत घाटाचो (WGs) विध्वंस आनी विखंडन हे WG तले वन्य जीवन आनी खासा करुन उत्तर गोंयातल्या वाठारा खातीर भंय भासा.	रेल्वे वरवी म्हालाचे स्थलांतर ही चालू आशिल्ली प्रक्रीया. क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण हाताळपाच्या प्रस्तावीत अतिरीक्त म्हालाक आस्पावन घेवपाक भारतीय रेल्वे वरवी, रेल्वे रुळाच्या विस्ताराची गरज ना, कारण सद्याची रेल्वे साधनसुवीधा अतिरीक्त म्हाल हाताळपाक फावो तीतली आसा.
vii.	NH17B आनी NH 4A लागुन लोकांचे विस्थापन; • NH 17B आनी NH4A च्या वेगवेगळ्या विभागात सद्या चालु आशिल्ले काम हे फक्त अतिरीक्त कोळश्याच्या आयाती खातीर आसा, जें जनते कडल्यान लिपयला. • ही कामां पर्यावरणीय संवेदनशील, CRZ वाठार, मुखेल कृशी जमीन, जल भरणा आनी थळाव्या समुदायाचो विध्वंस करतली. • NH 4A च्या विभागाचो विस्तार, महावीर राष्ट्रीय उद्यान/WLS कडेन WGs दुभाजीत करता हो ह्या कामांचोच भाग आसा. ही रानां आनी व्हडल्या देंवणशे मदल्यान रस्त्यांचो विस्तार पर्यावरणीय आपत्ती थारतली. • प्रकल्पाच्या परिणामाचीं चूकीची म्हायती दिवच्या खातीर प्रस्तावीत कोळसो आयातींतल्या वाडी खातीरच्या रस्तो विस्ताराची म्हायती जाणून बुजून लिपयल्या.	सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जावची ना. ह्या आधुनीकीकरणाच्या प्रस्तावाक लागुन SWPL न खंयच्याय रस्तो विस्ताराचो प्रस्ताव दवरुंक ना.
viii.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना: • PP न ह्या आदीच ड्रेजींगाच्या कामांचो कांय भाग पुराय केला, देस्तेरो, बायणा आनी खारीवाड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाचे विस्थापन, बायणा किना-यावेल्या रेंवेच्या ढिगा-यांचो विध्वंस आनी MPT गेट 9 वेल्यान NH 17B खातीर उड्डाण पुलाच्या बांधकामा खातीर (जें NH4A क बेळगांवा जोडता) झीज प्रवण देस्तेरो दोंगुल्ली भरप, NH 17B च्या मीसींग लींका खातीर लोटलींतल्यो खाजन जमनी भरप आनी खांडेपारा NH4A च्या विभागात दोंगुल्लेची कापणी आनी झाडां तोडप आदी. ही सगली कामां कोळसो विस्तारा खातीर आसात आनी काम सुरु करच्या आदी	निरीक्षण समा ना. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. I ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा.

	हाचो अभ्यास करुंक जाय आशिल्लो. • राज्य सरकार, MPT आनी केंद्र सरकारान मुद्दाम हे सत लोकांकडल्यान लिपयला आनी ईआयए अधिसुचोवणे खाला दिल्ल्या प्रमाण पुराय प्रकल्पा खातीर ईआयए अभ्यास करीनास्तना हे काम फुडे व्हेला. • ईआयए अधिसुचवणे खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना म्हणुन, हो प्रस्ताव न्हयकारुंक जाय आनी जमीन आनी न्हंयांचो तळ परत आशिल्लो तसो करुंक जाय.	धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
ix.	हवामान बदल, ग्लॉबल वॉर्मींग: • भारताची संसारीक समुदाया कडेन बांधीलकी, जी ताच्या INDC त घोशीत केल्ली, त्या प्रमाण जीवाश्म इंधनाच्या वापरात 2030 मेरेन 40% उणाव हाडुंक जाय. कोळसो साधनसुविधेत वाड ही भारताच्या जीवाश्म इंधन उणो करपाच्या बांधीलकेत फुडे वचपी वाट न्हय. • NASA आनी हेर संशोधनात्मक संस्थांच्या संकेतस्थळार प्रदर्शीत केलां त्या प्रमाण संसारीक सरासरी तापमान वाडीचो दर भयानक आसा आनी आमी बेगोबेग काळसो साधनसुविधा उणी करपाक जांय. कोळश्याच्या वापराच्या वाडी खातीर हो आसा, मात हवामान बदल वा ग्लॉबल वॉर्मींगा वीशी ईआयए अहवालात उल्लेख ना, हांतुतल्या अशे दिसुन येता की प्रकल्पाचे अती महत्वाचे पैलू मुद्दाम लिपयल्यात.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो बंदर टर्मीनलाचेर कोळसो हाताळणी खातीर आसा. आधुनीकीकरण आनी सद्याच्या क्षमतायेचो बरो वापर करच्या खातीर प्रस्तावीत ब-या कार्यक्षमतायेचो परिणाम म्हळ्यार क्षमतायेत वाड. संसारीक हवामान बदल मुद्द्याचेर उपाय करप हे ईआयए व्याप्तीच्या भायर आसा.
x.	एकठाय परिणाम मतीत घेवपाक अपेस: • झुवारी न्हंय आनी तीचे मुख, मुरगांव आनी सांकवाळे खाडीतले आनी चिखलीतले किनारी उदक प्रदुशणाक लागुन आनी मनश्याचो वावर जशे की मायनींग, बंदरावेलो वावर, जहाज आनी बार्जींची बांधणी आनी दुरुस्ती, लोकवस्ती, शारीकरण, पर्यटन आनी उद्देग हाका लागुन परिणाम जाला. ईआयए अहवालात हया वावराचो आनी तांच्या एकठाय परिणामाचो कसलोच उल्लेख ना.. • ईआयए अभ्यासात हया वाठाराच्या किना-याची व्हडा प्रमाणातली झीज मतीत घेतली ना. सल्लागारांच्या मर्यादीत दृश्टीकोनाक लागुन चुकील्ले कांय महत्वाचे मुद्दे आसात; a. मायनींगाची परतुन सुरवात - माननीय उच्च न्यायालयान गोंयात नव्यान लोह खनीजाच्या खणकामाक परवानगी दिल्या. व्हडा प्रमाणांत खणकाम सुरु जाल्ल्यान समुद्र आनी न्हंयाचे व्हडा प्रमाणात प्रदुशण जातले आनी नुस्तेमारी, सागरी जिवीत आनी मार बशिल्ले नुस्तेकार हांचेर व्हडा प्रमाणात परिणाम जातलो. b. पर्यटन- पर्यटन हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेचो कणो आसा आनी हरीत आनी नितळ प्रतीमेक लागुन पर्यटक भेट दितात. कोळसो हाताळणीत वाड केल्यार डॉल्फींन्स पळोवप, कोरल रीफ डायवींग आदी, तशेच दर्या दैंगो, वास्को शार आनी विमानतळ वाठाराचेर जाल्ल्या परिणामांक लागुनय गोंयच्या पर्यटन संकल्पनेत भरपुर उणाव येतलो. c. नुस्तेमारी- मानवनिर्मीत वावराक लागुन गोंयची नुस्तेमारी, नुस्त्याच्या साठ्याच्या उणावाची खर हानी सोसता. हे उणावाच्या गंभीर पांवड्यार पावला. ईआयए अहवालात गोंयची नुस्तेमारीची	EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. आधारभूत पर्यावरणीय देखरेख MPT वाठारातल्या हेर सद्याच्या उद्देग /ऑपरेशन्सातल्यान जावपी प्रदूशण मतीत घेता. मापदंडाची देखरेख सुवातों अशे तरेन वेंचल्यात की ते वाठारातल्या वेगवेगळ्या स्त्रोतांकडल्यान जावपी प्रदूशणय दाखोवन दीता. वेगवेगळ्या पर्यावरणीय मापदंडाच्या नमुनो सुवातांचो तपशील पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, प्रकरण 3 हांगा दिला. ईआयए अहवाल आनी हेर वैदानीक सादरीकरणांत स्पश्टपणान नमुद केला की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदराच्या बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्सांच्या आधुनीकीकरणाचो आसा. धक्को/सागरी वटेन कसलोच बदल प्रस्तावीत ना. निरीक्षण समा ना. प्रकल्प वाठाराचो किनारी रेशा दर्जो प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.14, पान क्र. 3-16 दिलां. a. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. b. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना.

	भलायकी मतीत घेना. d. किनारी झीज - गॉयच्यो रेंवाळ दर्यादेगो खर झीज सोसतात आनी ताचो दस्ताऐवज तयार केला. ड्रेजींग आनी व्हडा प्रमाणातलो वावर आनी जहाजांचो आकार, झीज आनीक वाडयतले आनी अभ्यासात हे सत मतीत घेतले ना. e. रियल इस्टेट आनी शारीकरण - शारीकरण आनी रियल इस्टेटीक लागुन न्हंयो, समुद्र आनी जमनी सयत अभ्यास क्षेत्रात गंभीर परिणाम जाल्यात, जाका लागुन सागरी आनी जमनीच्या पर्यावरणाचेर तशेच अर्थवेवस्था आनी गॉयच्या समाजाचेर खर प्रदूशण, झीज, गाळ साचप आनी हेर न्हयकारी परिणाम जातात. ईआयए अहवालात हया परिणामांचो संदर्भ ना. f. गॉयची वहन क्षमताय - गॉयची ल्हान जमीन आनी उदका मार्ग पारंपारीक रितीन वापरतात आनी ताका लागुन शाश्वत अर्थीक आनी सामाजिक उदरगत जाल्या. आयज तीच जमीन आनी उदक खाजगी लावा खातीर जशे की जशे की अदानी आनी JSW, 5 तारांकीत हॉटेलां, क्रुज जहाज पर्याटन, कसीनो, मरीना, उद्देगीक वाड, शीक्षणीक आनी वैजकीय संस्था, रीयल इस्टेट, मायनींग आनी साधनसुवीधा प्रकल्पां हांच्या खातीर वळयला, जाका लागुन गंभीर संघर्श जाल्यात. हे आवश्यक आसा की, गॉयचो सद्याचो अर्थीक वावर आनी तांचो एकठाय परिणाम मतीत घेवन राज्याची वहन क्षमताय आदी पळोवची.	c. ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, कोश्टक 3.14, पान क्र. 3-75 हांगा दिल्ले म्हायतीत 2011ते 2015 काळांत सागरी नुस्ते उत्पादनात वाड जाल्ल्याचे दाखयता. (स्त्रोत- नुस्तेमारी संचालनालय, गॉय सरकार). d. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. e. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. f. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना.
xi.	अपुरो आनी उथळ ईआयए अभ्यास: प्रकल्पा खातीर केल्लो ईआयए अभ्यास सकयल दिला त्या प्रमाण पुरायपणान दोशपुर्ण, अपुरो आनी ईआयए अधिसूचवणेचे पुर्ण उल्लंघन करता; a. फॉर्म I त सत पुरायपणान लिपयला : • फॉर्म I ची प्रत उपलब्ध ना. PP न फटीचे फॉर्म I सादर केला. प्रकल्पात बंदर आनी प्रवेश कालव्याचे ड्रेजींग, कोळसो हाताळणीत वाड आनी ताचो परिणाम म्हण प्रदूशण, सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण आनी NH 17B आनी 4A चे बेळगाव मेरेन चार पदरीकरण हे सत तांतुत लिपयील्ल्यान ते अपुरे आसा. • अभ्यास क्षेत्रातल्या असंख्य अनुसुचीत I प्रजाती आनी प्रवाळी आनी गॉयच्या पारंपारीक नुस्तेमारी खाडीचे सामाजिक-अर्थीक महत्व फॉर्म I त सुचीत करुंक जाय आशिल्ले. b. तीनूय अभ्यास वयले वयले आसात आनी अहवालात डेटा कॉपी पेस्ट केला.: तीनय अभ्यास एकाच वेळार एकच सल्लागार WAPCOS हांणी केलां. तीनय अभ्यासात पुराय वळख आनी कांय भाग कॉपी पेस्ट केला. ईआयए अभ्यासात अभ्यास क्षेत्राच्या सामाजिक -अर्थीक आनी पर्यावरणीय वास्तवा कडेन आडनदर केल्या. c. अपुरो आनी अपुर्ण ToR: ToR लेगीत उपलब्ध ना, मात सहाजीकच तो पुरायपणान अपुरो आसा कारण न्हंयाचे ड्रेजींग, येरादारी साधन सुविधा, वाडिल्ले कोळसो हाताळणी ऑपरेशन्स आनी ताचो परिणाम म्हण लोक आनी पर्यावरणाचेर पडपी प्रभाव हे प्रकल्पाचे भाग मतीत घेवपाचे निर्देश	निरीक्षण समा ना. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआय़ए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. a. भोवशीक सल्लोमसलती खातीर प्रसारीत केल्ल्या ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो फॉर्म I भाग आशिल्लो. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य

	v. गंभीर विध्वंसक परिणाम मुद्दाम लीपयल्यात: सल्लागारान अभ्यास क्षेत्राच्या पर्यावरणीय, अर्थीक आनी सामाजाचे प्रत्यक्ष स्वरुप फटींग दिला आनी लिपयला. पर्यावरण आनी सामाजिक -अर्थवेवस्थेचेर परिणाम खुप कमी जातलो अशे फटींग चित्र निर्माण करच्या खातीर आधारभूत डेटात फटींगपणा करप. w. अपुरे तज्ञ आनी अभ्यास: कोळसो आयातीतली वाड, रैंव न्हयेचे ड्रेजींग हाका लागुन लाखांनी रहीवाश्यांचेर गंभीर परिणाम जातले, कारण ताच्या परिणामांचो ह्या आदीच अणभव घेतला. मात, सद्याच्यो भलायकेच्यो समस्या आनी ताची संभाव्य वाड हाचेर अभ्यास करुंक ना. ड्रेजींग, जहाजांचो वाडील्लो आकडो आनी आकार आनी कोळसो हाताळणीचो सागरी जिवीत, जैवविवीधताय, नुस्तेमारी आनी नुस्तेकारांची उपजिवीका हांचेर परिणाम ह्या वीशी योग्य अभ्यास करुंक ना. e. मनमानीपणान हेत सांगला, विचारात लेगीत घेवुंक ना: EMP कडेन संबंधीत प्रकरण 5.1 त म्हळां "ईआयए अभ्यासात EMP चे महत्व म्हळ्यार पर्यावरणावेलो ताण/भार हो वहन क्षमताये भीतर आशिल्ल्याची खात्री करप. मात पर्यावरणाची वाहन क्षमताय आनी पर्यावरणावेलो ताण हाचे प्रमाण दिंवक ना. f. पर्याय: प्रस्तावीत प्रकल्पाक खंयचोय पर्याय विचारात घेवपाचो यत्न सल्लागारांनी करुंक ना. पर्यावरणीय आनी सामाजिक-अर्थीक विद्वंस मतीत घेयनास्तना गोंया वरवी कोळसो आयात वाडोवपाचो पयलीच विचार केल्लो निर्णय हांतुत दिसता. आयात केल्ल्या कोळश्या परस देशी कोळसो वापरपाचो विचार मतीत घेवपाक अपेस. g. खर्च आड लाव: खर्च आड लाव हाचेर अभ्यास करुंक ना. आधारभूत डेटा वा खर्च आनी प्रकल्पाचे लाव हांचे प्रमाण थारावपाचो यत्न करुंक ना. i. प्रस्तावकांनी ईआयए मार्गदर्शन पुस्तीके कडेन आडनदर केल्या आनी MoEF च्या ToR मार्गदर्शक तत्वांचे उल्लंघन केलां: बंदर आनी हार्बरावेली 2010 पुस्तीकेत दिल्ल्या जायत्या सुचोवण्यांक पाळो दिवपाक सल्लागारांक अपेस आयला. तशेच, ईआयए अभ्यास, MoEF न ToR खातीर ऑगस्ट 2009 त जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांचे पुरायपणान उल्लंघन करता.	जैवीक मापदंडा, खातीर केला आनी ताचे तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात दिल्यात. प्रकल्पाच्या वाठाराची जवसंख्यांकी रुपरेशा जनगणना अहवाल, 2011 चेर आधारीत आसा. ह्या प्रकरणात दिल्ली म्हायती मुखेलपणान मुळावो जनगणना गोशावरा 2011 तल्यान घेतल्या. सामाजिक -अर्थीक अभ्यासा खातीर मुळावो आधारभूत डेटा एकठाय करुंक ना कारण प्रस्तावीत प्रकल्पाचो थळाव्या रहिवाशींचेर कसलोच प्रत्यक्ष आनी उल्लेखनीय न्हयकारी परिणाम जायना, कारण क्षमताय वाड प्रकल्पात भुंय संपादनाचो प्रस्ताव ना. आमच्या क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. e. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्दयाक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. f. साबार दुय्यम डेटा स्त्रोतांचेर आधारुन ईआयए तयार केला, जांका ईआयए अहवालाच्या वेगवेगळ्या प्रकरणात योग्य श्रेय दिलां. g. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्दयाक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. h. आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना. i. प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5., पान क्र. 5-1 त केल्ले वक्तव्य हे प्रकल्प वावराकडले न्हयकारी परिणाम ताब्यात दवरपा खातीर /सुधारपा खातीर योग्य आनी अनुरुप EMPs घालुन दिवपाच्या आधाराच्या संदर्भात केल्ले. सद्याचे ऑपरेशन्स वा प्रस्तावीत क्षमताय वाडीच्या बाबतीत खंयचेय पर्यावरणीय मापदंड तांच्या वहन क्षमताये मेरेन पाविल्ल्याचे ईआयए अहवालात दाखयना. j. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्या. टर्मीनल सुवीधेचे हे आधुनीकीकरण. म्हणुन पर्यायांचो अभ्यास करपाची गरज ना. k. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 (दुरुस्त), परिशिश्ट III, Sr. 9 प्रमाण MoEFCC न जारी केल्याधि अतिरीक्त ToR चो भाग म्हण आस्पावीत केल्यारुच खर्चाच्याचो लावाचे मुल्यांकन करप गरजेचे आसा.

		I. बंदर आनी हार्बरा खातीरच्या विशिश्ट क्षेत्र ईआयए मार्गदर्शन पुस्तीकेचेर आधारुन ईआयए अहवाल तयार केला.
xiii.	स्थीरताय आनी जतनायेची तत्वां मतीत घेंवक ना: ईआयएत खंयच 'स्थीरताय' वा जतनायेचे तत्व' हे शब्द नमुद करुंक ना. आमी ईआयए अभ्यास न्हयकारतात कारण ते पुरायपणान फटींग आसात आनी ईआयए अधिसूचवणेचे उल्लंघन करतात. आमी हया प्रकल्पाक विरोध करतात कारण तो फक्त गोंयच्या नुस्तेकारांच्या, वास्को द गामा, मुरगाव आनी हेर मार बशील्ल्या गावांच्या रहिवाश्यांच्या, आनी समुद्र आनी गोंयच्या न्हंयाच्या जल जिवीताच्या हीताच्याच आड न्हय, जाल्यार राष्ट्रीय आनी संसारीक हिताच्या आड आसा.	प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिंवक ना.
87. फेडरेशन ऑफ रेनबो वॉरीयर्स, मडगांव		
i.	बेकायदेशीर आनी अवैध भोवशीक सुनावणी: भोवशीक सुनावणी सकयल्या मुद्दयांक लागुन बेकायदेशीर आसा; a. याचिका 10/2016 तलो NGT चो निकाल मतीत घेवपाक MoEF क अपेस आयला - NGT च्या निकाला प्रमाण, प्रकल्प आनी संबंधीत ड्रेजींग आनी रेल्वे आनी रस्तो जोडणी एका प्रकल्पाचो वांटो आसात कांय कीते हे MoEFCC न मतीत घेवपाक जाय आसले, मात MoEFCC न नियाळ घेंवक ना आनी ईआयए अभ्यास आनी PH हे NGT च्या निर्णयाचे पुराय उल्लंघन करुन घेतला. b. ईआयए अहवाल पंचायतींत उपलब्ध ना - ईआयए अहवाल प्रकल्पाचो मार बशिल्ल्या कांय पंचायतींक उपलब्ध करुन दिला, मात हेर जशे की चीखली, चिकोळणा, सीरीदाव-पाले, ताळगांव आनी कुडका बांबोळी पंचायतीक दस्ताऐवज दिंवक ना. अहवालाचो नियाळ घेवन PH त वाटेंकार जावपाचो गांवातल्या नागरीकांचो हक्क हिरावन घेतला. c. फॉर्म I संकेतस्थळाचेर उपलब्ध ना - फॉर्म I पंचायत आनी GSPCB च्या संकेतस्थळार लेगीत उपलब्ध ना.	a. टिप्पणी PP खातीर ना. b. उपकार करुन 7(i) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात c. फॉर्म I हे ईआयए अहवालाचो भाग आशिल्ले, भोवशीक वाठाराचेर प्रदर्शीत केल्ले आनी GSPCB च्या संकेतस्थळारय घाल्ले.
ii.	मार्गदर्शन पुस्तीकेक पाळो दिंवपाक अपेस: MoEFCC न बंदर आनी हार्बरा खातीर तयार केल्ल्या ईआयए मार्गदर्शन पुस्तीकेचे अनुपालन करुंक अभ्यासात अपेस आयला अशं ईआयए अहवालात सकयल्या मुद्दयावेल्यान दिसता; a. मार्गदर्शन पुस्तीके प्रमाण सद्याच्या प्रकल्पाच्या पर्यावरणीय अनुपालन विधानाचे दिंवक ना (पॅरा: 1.9, (5) b. रेल्वे जोडणी खातीर रेल्वे रुळाच्या दुपदरीकरणाची गरज आसा आनी NH 17B आनी NH 4a तल्यान रस्तो जोडणी खातीर रोनां (संवर्धन) कायदो, 1980 आनी रानांजीव (राखण) कायदो 1972 खाला मान्यताय घेंवपाक जांय, मात पुस्तेकेच्या पॅरा 1.9 प्रमाण हे सत लिपयील्ले.	a. RO MoEFCC बंगळुरु आवश्यकताये प्रमाण अनुपालन निवेदन जारी करपाच्या प्रक्रीयेत आसा. b. उपकार करुन 85(vi) आनी 85(vii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

	c. आवश्यक नकाशे उपलब्ध करुंक जांय, जशे की हायड्रोग्राफीक चार्ट (पुस्तीकेचो पॅरा 2.1) मात कांयच उपलब्ध करुंक ना.	c. CRZ नकाशे ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो भाग आशिल्ले.
	d. बेथीमैट्रीक डेटा उपलब्ध करुंक जाय (पुस्तीकेचो पॅरा 2.2) मात उपलब्ध करुंक ना.	d. आवश्यकयात ना, कारण हया आधुनिकीकरण प्रकल्पात समुद्री वाठार विस्ताराचो आस्पाव ना.
	e. ईआयए अहवालात, रेल्वे रुळाच्या दुपदरीकरणाचो आराखडो आस्पावीत करुंक ना, "सद्याची जोडणी अशे तरेन वाडोवपाची गरज आसा की साधनसुविधेत गर्दी जावची ना" अशे ईआयए अहवालात मान्य केला (पुस्तीकेच्या पॅरा 2.8 प्रमाण)	e. उपकार करुन 85(vi) आनी 85(vii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	f. पुस्तीकेच्या प्रकरण 3 कडेन आडनदर केल्या. पर्याय हया आदीच उपलब्ध आसात जशे की उदेंतेक बंदर, बरे तरेन सज्ज आसपा खातीर जाचो अहवालात आस्पाव केला आनी कसल्याच विस्ताराची गरज ना. म्हणुन पर्याय मतीत घेतल्यार हया विस्ताराची गरज ना.	f. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या टर्मीनल सुविधेचे हे आधुनीकीकरण. म्हणुन पर्यायांची गरज ना.
	g. IA अहवालात चडश्या गुणधर्माचेर मुळावो डेटा दिवपाक पुरायपणान अपेस आयला, जाल्यार फक्त 10 किमी खातीर डेटा एकठाय केला जो पुरायपणान अपुरो आनी अपुर्ण आसा. पुस्तीकेच्या पॅरा 4.1 प्रमाण, मुळावो आधारभूत डेटा (वायु, उदक, आवाज, माती, आदी) प्रकल्पाच्या शीमे कडल्यान 5 किमी आनी दुय्यम डेटा 15 किमी हवाई अंतराचेर अशे, ईआयए अधिसुचोवणेच्या फॉर्म I खातीर, भाग 9 (III) त नमुद केला.	g. ईआयए मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण आनी मान्यतायप्राप्त ToR प्रमाण, वायु, उदक, आवाज, पर्यावरण आनी भुंय पर्यावरणाचो तपशीलवार आधारभूत दर्जो (5 किमी कडेन मुळावो आधारभूत डेटा आनी 10 किमी कडेन दुय्यम) ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात दिला.
	h. जमनीचो आधारभूत डेटा, वाठाराची वळेरी, जमीन आनी जनसांख्यीकी रुपरेखा अनुपालना खातीर उपलब्ध केला जाचे कडेन आडनदर केल्या (पुस्तीकेच्या पॅरा 4.2.1 प्रमाण).	h. भुंय वापर नमुन्याचो तपशील ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.13, पान क्र. 3-14 आनी विभाग 3.20.1, पान क्र. 3-77 त जनसांख्यीकी रुपरेशा हांतुत दिला.
	i. प्रदेशाची रचना आनी राज्यां कडेन संबंधीत पुस्तीकेच्या पॅरा 4.2.2, प्रदेश रचनेचो आवश्यक आधारभूत डेटा दिंवक ना.	i. भुंय वापर नमुन्याचे भौगोलीक तपशील ईआयए अहवाल प्रकरण 3, विभाग 3.13, पान क्र. 3-14 हांगा दिल्यात.
	j. भूगोल आनी राज्यां कडेन संबंधीत पुस्तीकेच्या पॅरा 4.2.3 प्रमाण, भौगोलीक स्थीती आनी मुखेलपणान किनारी भागाचो आधारभूत डेटा दिंवक ना.	j. कसल्याच अतिरीक्त भुंय वाठार उदरगती बगर हे सध्याच्या बंदर सुविधेचे आधुनिकीकरण, म्हणुन वाठाराच्या भूगर्भशास्त्राचो अभ्यास करपाची गरज ना.
	k. माती आनी राज्यां कडेन संबंधीत पुस्तीकेच्या पॅरा 4.2.4 प्रमाण, जंय ड्रेजींगाचो आस्पाव आसा थंय प्रस्तादीत ड्रे खोलायेच्या 10 मी पोंढा मेरेनच्या मातयेची भू तंत्रीक वैशिश्ट्यांचो आस्पाव अहवालात करुंक ना.	k. आधुनिकीकरण प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना.
	l. किनारी उदका खातीर (पुस्तीकेचो पॅरा 4.3) 'नेमुन दिल्ल्या उत्तम वापराचे' जल दर्जो मानक मतीत घेवपाक अहवालात अपेस आयला, खासा करुन चिखले, सांकवाळे आदी सुवातांच्या लागसार शेल फीशींग आनी जैव-संवेदनशील क्षेत्र आशिल्ल्यान.	l. विश्लेशण केल्ले उदकाच्या दर्ज्याचे मापदंड हे बंदर आनी हार्बर खातीरच्या उदकाच्या "वर्ग IV" च्या मान्यतायप्राप्त मर्यादेत आसात.
	m. पुस्तीकेचो पॅरा 4.4.1 किनारी हायड्रोलोजी / भू आकृती विज्ञाना कडेन संबंधीत आसा आनी बांधा-यांचे बांधकाम आनी केपीटल ड्रेजींग करतले जाल्यार समुद्र विज्ञान डेटा एकठाय करपाची गरज आसा, मात, प्रस्तावीत वाड प्रकल्पा खातीर ड्रेजींगाची गरज आसुनय अशे तरेचो अभ्यास करुंक ना.	m. प्रकल्पात अतिरीक्त सागरी वाठार उदरगत जशे की बांधा-यांचे बांधकाम, ड्रेजींग आदींचो आस्पाव ना.
	n. पुस्तीकेच्या पॅरा 4.4.2 प्रमाण वेगवेगळ्या मापदंडांची मेजणी करुन तळातल्या गाळाची घाण पळोवच्या खातीर प्रकल्पाचे सुवातेर आधारभूत डेटा एकाठाय करुंक जाय, मात अशे तरेचो डेटा अहवालात आस्पावीत करुंक ना.	n. विखारी अवजड धातुं खातीर तळातल्या गाळाचे विश्लेशण ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.3, पान क्र. 3-41 हांगा दिला.

	o. पॅरा 4.4.3 प्रमाण सामान्यपणान वेगवेगळ्या खोलायेचेर नमुनो घेवपाची गरज आसा, मात असे तरेचे नमुने घेवुंक ना. p. उदकाच्या जैवीक पर्यावरणा खातीरच्या आधारभुत दर्ज्या कडेन संबंधीत पुस्तीकेच्या पॅरा 4.5 प्रमाण जमीन, किनारी आनी सागरी हॅबीटेट अभ्यासात एकठाय करुंक ना. q. पॅरा 4.5.1 त सागरी/किनारी पर्यावरणाची म्हायती दिल्या, जांतुत बॅक्टेरीया, phyto, zoo, बेंथोस, प्रवाळी, समुद्री तण, शेलफीश, नुस्ते आनी हेर जलीय जीव हांच्यो प्रजाती, जमनीवेली वनस्पत जशे की चीपांची झाडां, आनी आर्द्रभूंय हांचो आस्पाव आसा. मात, सागरी/किनारी पर्यावरण वा प्रस्तावीत ड्रेजींगाचो वनस्पत आनी प्रण्यांचेर परिणाम हांचो अब्यास करुंक ना. r. पुस्तीकेच्या 4.5.2 पॅरात लागसारचो वाठार आनी राज्यांतल्या वनस्पत आनी प्राण्या वीशी आसा. मात, पुस्तीकेत दिल्ल्या प्रमाण दुय्यम डेटा एकठाय करुंक ना. s. पॅरा 4.6 वायु पर्यावरणा कडेन संबंधीत आसा आनी तपशीलवार हवामानसाश्त्रीय डेटा एकठाय करपाची गरज आसा जो अहवालात एकठाय करुंक ना. CPCB नेमां प्रमाण प्रकल्पा शीमे कडल्यान 5 किमी वाठारा मेरेन वायु दर्जो मापदंडाचो आधारभूत डेटा मान्सुन सोडुन एका मोसमा खातीर एकठाय करुंक जाय. मात तो एकठाय करुंक ना. t. सामाजिक-अर्थीक आनी वेवसायीक भलायकी पर्यावरणाच्या संबंधान, पुस्तीकेत जांय आशिल्लो सामाजीक-अर्थीक डेटा दिवपाक अहवालात अपेस आयला. u. पुस्तीकेचो पॅरा 4.10 भोवशीक उपयुक्तताय जशे की रस्तो, रेल्वे आनी अंतर्गत उदका मार्गाचो आस्पाव आसा. मात, वेगवेगळ्या भोवशीक उपयुक्ततायेचेर जावपी थेट परिणाम मतीत घेवपाक अहवालात अपेस आयला, जशे की दाबोळी विमानतळ, जो बंद जावपाचो भंय आसा कारण NH 17B आनी NH 4A कार्यान्वीत जाल्या उपरांत ताच्या प्रवेश मार्गार कोळसो ट्रकांची येरादारी जातली. v. पुस्तीकेच्या प्रकरण 5 त पर्यावरणाच्या वेगवेगळ्या घटकांचेर जावपी परिणामांच्या मुल्यांकना खातीर तपशीलान मार्गदर्शक तत्वां दिल्यात. धक्क्याच्या क्षमताय वाडी खातीर आवश्यक ड्रेजींगाक लागुन सागरी आनी किनारी पर्यावरण, वनस्पत प्राणी, नुस्तेमारी, नुस्तेमार समुदाय आनी गोंयच्या लोकांचेर जावपी परिणाम मतीत घेवपाक अहवालात अपेस आयला.	o. समुद्री पर्यावरण नमुने पृश्ठभाग आनी पोंदातल्या उदकाचे घेतल्यात. p. समुद्री आनी भुंय पर्यावरण डेटा ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17, पान क्र. 3-28 आनी विभाग 3.18 पान क्र. 3.63 हांगा क्रमान दिला. q. तपशीलवार सागरी पर्यावरण डेटा ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17, पान क्र. 3-28 हांगा दिला. r. तपशीलवार सागरी पर्यावरण डेटा ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17, पान क्र. 3-28 हांगा दिला . s. 16.09.009 तारखेच्या CPCB मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण एकठाय केल्लो 5 किमी प्रकल्प क्षेत्रातलो वायु दर्जो डेटा ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, विभाग 3.15, पान क्र. 3-17 हांगा दिला. t. सामाजिक अर्थीक डेटा ईआयए अहवाल प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत डेटा, विभाग 3.20.1, पान क्र. 3-77 हांगा दिला. u. उपकार करुन 85(vi) आनी 85(vii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. v. आधुनिकीकरण प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना, म्हणुन उल्लेखनीय ना. w. उपकार करुन 93(xii.l) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
iii.	फॉर्म I- पुराय फटींगपणा आनी लिपयला: सादर केल्ल्या फॉर्म I त, बंदराचे ड्रेजींग, रेल्वे जोडणी आनी रस्तो जोडणी क्षमताय वाडी खातीर आवश्यक आसुनय, धक्क्याच्या क्षमतायेची वाड ही एकोडी आसा अशे चित्र तयार केला. फॉर्म I खंडन करता की कलम II, 9, 9.1 खाला म्हणता की, प्रकल्पाची काळजी घेवच्या खातीर सद्याच्या साधनसुविधेचो विस्तार करतले. फॉर्म I त फटींग सांगला की, अशे परिणामांचे सद्याचे आनी येवजण केल्ले हेर प्रकल्प ना, जेन्ना अदानीचे कोळसो हाताळणी 7 धक्के, हे 5a, 6A धक्क्याक तेंकुन आसात.	2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना.
iv.	लोकांचो सहभाग – संविधानाचे उल्लंघन:	

	भारतीय संवीधानाच्या, 74 वे दुरुस्ती प्रमाण, वास्को सारख्या लागीच्या शेजारा कोळसो हाताळणी वाडोवपा सारख्या महत्वाच्या निर्णय प्रक्रियेत लोकांच्या सहभागाची गरज आसा. निर्णय प्रक्रियेत वास्कोच्या लोकांचो संविधानीक सहभाग जाल्या उपरांतच हो प्रकल्प आनी ईआयए अभ्यास मतीत घेवचो.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 प्रमाण भोवशीक सल्लोमसलत हो ईसीचो भाग, जो लोकांच्या मागणे प्रमाण आयोजित करतात..
v.	MPT जमीन आनी उदक बेकायदेशीरपणान वापरता: MPT न बेकायदेशीरपणान मुरगाव कोमुनीदादीच्या मालकीची जमीन आनी नुस्तेमार समुदायाच्या हार्बर आनी समुद्रातल्या उदकाचेर आपलो ताबो दवरला. जमीन वा थळाव्या समुदायाच्या हक्कांचे कसलेच प्रकारचे हस्तांतरण केल्लाच जाले ना. जमनीची मालकी तपासुन पळयनास्तना EAC/MoEF न ToR जारी करुन आपली जापसालदारकी पुराय करपाक अपेशी थारल्यात. मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठा मुखार प्रकरण सुरु आसा.	टिप्पणी प्रकल्प प्रस्तावकां खातीर करुंक ना.
vi.	खासगी बंदरा खातीर MPT हो एक मोर्चा: हो प्रकल्प भोवशीक हीताच्या आड आसा. SWPL आनी अदानी हांका प्रचंड फायदो जावच्या खातीर फक्त आसा आनी ह्या खासगी म्हामंडळांच्या मालकीच्या फॅक्ट-यांखातीर हाची येवजण आसा. • हाका लागुन ग्लॉबल वॉर्मींग वाडतले -सगल्या मनीसकुळाक घातक. • हाका लागुन पुराय गोंयातलो वायु, उदक आनी जमीन प्रदूशीत जातली जाका लागुन लाखानी नागरीक ल्हवुल्हवु मरतले. • हार्बर, न्हंयो, समुद्र, खाडी आनी खाजन जमनीतले समुद्री जीवन ते मारुन वडयतले. • ड्रेजींगाक लागुन हार्बर आनी वास्को खाडी भोवतणची नाजुक आनी पर्यावरणीय-संवेदनशील दॅवती कोसळतली, जाका लागुन धा हजार नागरीक विस्थापीत जातले आनी व्हडा प्रमाणात सामाजिक-अर्थीक आनी पर्यावरणीय विध्वंस जातलो.	उपकार करुन 1(i), 4(i.d), आनी 85(i.a) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
vii.	JSW चे आदले रॅकोर्ड: कोळसो खंडात दुबावीत अनियमीततायेचो आरोप JSW चेर जाला. JSW आड 07.02.2017 दिसा, PEN, महाराष्ट्रात जेटी बांधच्या खातीर पर्यावरणीय मान्यताय घेयनास्तना चीपाची झाडां कापील्ल्या खातीर एफआयआर नॉंद केल्ली.	निरीक्षण समा आनी आनी ते प्रकल्पा कडेन संबंधीत ना.
viii.	गोंया वरवी कोळश्याची आयात वाडोवपाची येवजण मुद्दाम लिपयल्या: हो प्रकल्प MPT चेर कितल्याश्याच पटींनी कोळश्याची हाताळणी वाडोवपा खातीर आसा जाची फुडे कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी आंध्रं प्रदेशांत वशील्ल्या आनी प्रस्तावीत उर्जा आनी स्टील प्रकल्पा कडेन येरादारी जातली. हाका लागुन, पर्यावरणीय आनी सामाजिक-अर्थीक परिणाम अभ्यासा खातीर कामाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीचो आस्पाव करुंक जाय आशिल्लो; • समुद्र, न्हंय आनी खाडीचे ड्रेजींग • बंदराचे धक्क्यांचे बांधकाम आनी विस्तार • बंदर न्यासा कडेन कोळश्याची हाताळणी • वाडिल्ल्या कोळश्याची कर्नाटकात येरादारी करच्या खातीर रेल्वे आनी रस्तो जोडणीचे बांधकाम	• आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना. प्रस्तावीत आधुनीकीकरणात ड्रेजींग आसा वा ना, ताचो सध्याच्या उदरगती कडेन संबंध ना. • ह्या आधुनीकीकरणाच्या प्रकल्पा खातीर अतिरीक्त धक्को आनी अतीरिक्त वॉटरफ्रंटाची गरज ना. • प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिंवक ना. • सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्यायावेल्यान येरादारी ना. SWPL कडल्यान रेल्वे रुळाच्या विस्ताराचो प्रस्ताव ना. म्हालातली वाड सध्याच्या रेल्वे साधनसुविधेत आस्पावन

	• कर्नाटक आनी हेर राज्यांतले प्रस्तावीत स्टील आनी उर्जा प्रकल्प. • PP न MoEF कडल्यान कामाचे प्रत्यक्ष स्वरुप लिपोवन पुराय फटींगपणा केल्यात. • MoEF न हेर प्रकल्पांवीशी म्हायती उपलब्ध आसूनय पुराय प्रकल्प मतीत घेयनास्तना आनी ToR जारी करुन पुरायपणान चूक केल्या. • सरकारान गोंयाक अदानी, JSW आनी हेरां खातीर कोळसो हबात रुपांतरीत करपाची येवजण केल्या हे सत मुद्दाम लिपोवन दवरला. • सगली येवजण लोकां वांगडा सल्लोमसलत करुन करची अशी भारतीय संबीधानात आवश्यकताय आसा	घेवपाक जाता. • प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिंवक ना. • 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. • उपकरा करुन 1(i) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. • प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिंवक ना. • ईआयए अधिसुचोवणी 2006 प्रमाण भोवशीक सल्लोमसलत हो EC प्रक्रियेचो भाग आसा आनी लोकांच्या मागणे प्रमाण घेतल्या.
ix.	पर्यावरणीय कायद्याचे उल्लंघन करच्या खातीर कामाच्या व्याप्तीचे तुकडे: प्रकल्पाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीत, सद्या मुरगांव हार्बराचे ड्रेजींग (आनी फुडाराक गोंयातल्या 6 न्हंयातले), मुरगाव, साश्ट आनी तिसवाडी तालुक्यातल्यो कितल्योश्योच नुस्तेमारी सुविधा हातासप, कोळसो हाताळणी खातीर धक्को आनी जेटी तयार करप, सद्याच्या धक्क्याचो विस्तार/उदरगत, 4 पदरी म्हामार्गाचे बांधकाम आनी आमचे गांव आनी अस्तंत घाटातल्यान सावथ-वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण हांचो आस्पाव आसा. अशे दिसून आयला की PP अभ्यासात धक्को 5A आनी 6A सोडुन सगल्या हेर संबंधीत कामां कडेन मुद्दाम आडनदर केल्या, आनी म्हणुन ईआयए अधिसुचोवणेचे उल्लंघन केलां. प्रकल्प ल्हान भागांत विभागला, जे फक्त एकोडे अर्थशून्य आसात. पर्यावरण, अर्थकारण आनी गोंयाच्या समाजावेलो गंभीर परिणाम लिपोवपाचो हो कुटील यत्न आनी ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 चे उल्लंघन.	उपकार करुन 1(iii), 84(iv.c), आनी 85(i.a) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
x.	उदकाचे प्रदुशण: कोळश्यातल्यान व्हंवपी उदक, धुल्ल दमन यंत्रणा, उदकाचेर बशील्लो कोळश्याचो धुल्ल, कोळश्याचो फैलाव, जहाजांतल्यान प्रदुशण, जावपी जल प्रदुशण आनी खासा करुन बेन्थीक समुदाय, प्रवाळीं आदींचेर जावपी प्रदुशण मतीत घेवपाक ईआयए अभ्यासात अपेस आयला.	उपकार करुन 27(ii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
xi.	गोंयच्या नुस्तेमारीचो विध्वंस: गोंया वरवी कोळसो आयातींत वाड करपाची प्रस्तावीत येवजण सागरमाला खातीरच्या निमाण्या अहवालात (खंड V) दिल्या. ह्या अहवालातल्यान हे स्पश्ट जाता की मुरगांव तालुको आनी बेतुल नुस्तेमारी गांवांतलो नुस्तेकार समुदाय ह्या प्रकल्पाक लागुन पुरायपणान विस्थापीत जातलो. मुरगांव बंदरावेले प्रस्तावीत ड्रेजींग मुरगांव हार्बर आनी वास्को खाडी, चिखली आनी सांकवाळे सारख्या सरभोवतणच्या वाठारातल्या नुस्तेमारीचो पुरायपणान विध्वंस जातलो. रस्ते जाळे, कार्यशाळा आनी CFs सुविधांक लागुन बायणांतले नुस्तेमार पुरायपणान विस्थापीत जावपाचो प्रस्ताव आसा.	6 न्हंयांचे ड्रेजींग हे आमच्या आधुनिकीकरण प्रकल्पाच्या व्याप्तींत ना. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. तशेच उपकार करुन 85(i.a) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

	गोंयातल्या अंतर्गत भागात कोळसो हाताळणी व्हरपाक, न्हंयो, जमनी आनी गोंयातल्या अंतर्गत वाठारातल्या गांवांत विध्वंस पातळोवच्या खातीर, 6 न्हंयाचे राष्ट्रीयकरण आनी ड्रेजींग करतात. ह्यो विध्वंसक येवजणों गोंयच्या नुस्तेमारी उद्देगाची पुरायपणान वाट लायतल्यो, वेगळ्या सागरी जीवीताची जैववीवीधतायेचो विध्वंस करतल्यो आनी गोंय राज्याच्या सामाजिक अर्थीक वाठाराक हानी करतल्यो.	
xii.	नुस्तेमार समुदायाचे विस्थापन: गोंयातलो नुस्तेकार समुदायाक नुस्त्याच्या साठ्याचे लुकसाण, आनी शारीकरणाची वाड, पर्यटन उद्देग आनी मायनींग सारख्या गोश्टींक लागुन तयार जाल्ल्या हेर ह्या सारख्या समस्यांनी ह्या आदीच रेंवाडो घाला, जाका लागुन नुस्तेमारीचो, नुस्तेमारी साधनसुविधा आनी नर्सरींचो विध्वंस आनी प्रदूशण जाला. कोळश्याच्या आयातीतली प्रस्तावीत वाड, ड्रेजींग आनी आवश्यक साधनसुविधांक लागुन गोंयातल्या नुस्तेमार समुदायाचे पुरायपणान विस्थापन जातले. प्रकल्पाचो आवश्यक भाग, ड्रेजींगाक लागुन आनी ह्या आदीच सुरु जाल्ल्या रस्तो बांधकामाक लागुन थेट मार बशिल्ले खारीवाडो, बायणा आनी देस्तेरोतल्या नुस्तेमार समुदायाचे जावपी विस्थापन आनी हानी हाचे प्रमाण दिवपाचो यत्न ईआयए अधिसुचोवणेत करुंक ना. बायणा, देस्तेरो आनी खारीवाड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाच्या विस्थापनाची नोंद करुंक EIA अभ्यासात अपेस आयला.	ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना.
xiii.	वायु प्रदुशण: वास्को शार, मुरगांव, दाबोळी, चिखली, सांकवाळे, कुड्डाळी आनी दोना पावला मेरेन झुवारी न्हंयेचो उत्तरे कडलो किनारो ह्या आदीच गंभीर कोळसो प्रदुशणाचो त्रास सोसता आनी हे सत GSPCB न जारी केल्ल्या जायत्या कारणां दाखय नोटीस आनी काम थांबय आदेशावेल्यान मान्य जाता. जायत्यो नोटीसी आनी आदेश जारी करुनय MPT, अदानी, SWPL हांका प्रदूशण आडावप जमले ना. कोळसो आयातीतली प्रस्तावीत वाड ह्या सगल्या अती प्रदुशीत वाठारा खातीर भलायकी आनी पर्यावरणीय आपत्ती थारतली. थळाव्या लोकसंख्येच्या भलायकेचेर आनी पर्यावरणाचेर जावपी परिणाम खबर आसूनय अशे तरेच्या अती प्रदूशीत वाठारात, कोळसो हाताळणी वाडुंक जायना. सद्याच्या कोळसो हाताळणी सुविधांतल्यान जावपी वायु प्रदुशण आडावपाक कितल्याश्याच तेंपाचे अपेस आनी नाईलाजाचे सत PP न मुद्दाम जावन लिपयला. ईआयए अभ्यासात GSPCB न जारी केल्ल्यो नोटीसो, राहिवाश्यांनी कितलोसोच तेंप सोशील्ले धुल्लाचे प्रदूशण आनी ह्यो गंभीर समस्या सुटाव्यो करपाक PP क आयिल्ले अपेस ह्यो गोश्टी मतीत घेवपाक पुरायपणान अपेस आयला.	GSPCB न दिल्ल्या आदेशांचे योग्य आनी बेगोबेग पालन केल्ले आनी योग्य प्रक्रीयेक पाळो दिवन प्रकरणीचे निराकरण केल्ले. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. क्षमताय वाड पांवड्यार, योग्य APCMs स्थापीत करुन आमी उत्सर्जन मानकांक पाळो दीतले. प्रस्तावीत उत्सर्जन नियंत्रण उपाय प्रकरण 4, परिणामांचे मुल्यांकन आनी शमन उपाय, विभाग 4.3.4, पान क्र. 4.14 चेर दिल्यात. प्रस्तावीत क्षमताय वाडीक लागुन वायु पर्यावरणाचेर उल्लेखनीय परिणाम जावपाची शक्यताय ना.
xiv.	कोळश्याक लागुन मरण:	उपकार करुन 1(iii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

	विज्ञानीक अहवालात अशे म्हळां की संसारभरात 8 तलो एक मनीस कोळसो आनी हेर तरेच्या वायु प्रदुशणाक लागुन मरता. कोळसो वापरांत वाड आनी हया प्रकल्पाक लागुन वाडिल्ल्या वायु प्रदुशणाक लागुन हजारांनी लोकांक मरण येतले.	
xv.	रेल्वेक लागून लोकांचे विस्थापन; • कोळश्याच्या प्रस्तावीत आयातीच्या येरादारी खातीरच सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण प्रस्तावीत आसा. • सद्याचो रेल्वे रुळ गोंयातल्या उच्च लोकसंख्या आशिल्ल्या गांवातल्यान वता आनी थळाव्या समुदायाचे व्हडा प्रमाणात विस्थापन करुन रुळाचे दुपदरीकरण शक्य ना. • रेल्वे रुळा लागसरच्या थळाव्या लोकसंख्येवेलो भलायकी आनी आवाजाच्या प्रदुशणाचो परिणाम व्हडा प्रमाणात वाडतलो. • रेल्वे रुळा लागसरच्या शाश्वत अर्थवेवस्थेची हानी आनी पर्यावरणाचो विध्वंस तीतलोच भयानक आसतलो. • रेल्वे रुळाच्या दुपदरीकरणाक लागुन अस्तंत घाटाचो (WGs) विध्वंस आनी विखंडन हे WG तले वन्य जीवन आनी खासा करुन उत्तर गोंयातल्या वाठारा खातीर भंय आसा.	रेल्वे वरवी म्हालाचे स्थलांतर ही चालू आशिल्ली प्रक्रीया. क्षमताय बाड प्रकल्पाचो भाग म्हण हाताळपाच्या प्रस्तावीत अतिरीक्त म्हालाक आस्पावन घेवपाक भारतीय रेल्वे वरवी, रेल्वे रुळाच्या विस्ताराची गरज ना, कारण सद्याची रेल्वे साधनसुवीधा अतिरीक्त म्हाल हाताळपाक फावो तीतली आसा
xvi.	NH17B आनी NH 4A लागुन लोकांचे विस्थापन; • NH 17B आनी NH4A च्या वेगवेगळ्या विभागात सद्या चालु आशिल्ले काम हे फक्त अतिरीक्त कोळश्याच्या आयाती खातीर आसा, जें जनते कडल्यान लिपयला. • ही कामां पर्यावरणीय संवेदनशील, CRZ वाठार, मुखेल कृशी जनीन, जल भरणा आनी थळाव्या समुदायाचो विध्वंस करतली. • NH 4A च्या विभागाचो विस्तार, महावीर राष्ट्रीय उद्यान/WLS कडेन WGs दुभाजीत करता हो हया कामांचोच भाग आसा. ही रानां आनी व्हडल्या दैवणशे मदल्यान रस्त्यांचो विस्तार पर्यावरणीय आपत्ती थारतली. • प्रकल्पाच्या परिणामाचीं चूकीची म्हायती दिवच्या खातीर प्रस्तावीत कोळसो आयातींतल्या वाडी खातीरच्या रस्तो विस्ताराची म्हायती जाणून बुजून लिपयल्या.	सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जावची ना. हया आधुनीकीकरणाच्या प्रस्तावाक लागुन SWPL न खंयच्याय रस्तो विस्ताराचो प्रस्ताव दवरुंक ना.
xvii.	झीज आनी पालसणां कोसळपाचो गंभीर भंय: हया प्रकल्पात ड्रेजींगाचो आस्पव आसा. खाडीचे हे आदीच धक्को 8, 9, आनी 11 खातीर ड्रेजींग केला, जाका लागुन खारी वाडा किना-यार हाली तेंपार खर झीज जाल्या. ड्रेजींगात वाड जाल्यार किनारो पुरायपणान पुसुन वतलो. मुखार, सडाचो दोगुल्ले कडलो वाठार जंय भरपुर लोकसंख्या आसा, तो दैवतेच्या पोंदा ड्रेजींग केल्ल्यान कोसळतलो.	आधुनिकीकरण आनी क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण ड्रेजींगाचो प्रस्ताव ना.
xviii.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना: • PP न हया आदीच ड्रेजींगाच्या कामांचो कांय भाग पुराय केला, देस्तेरो, बायणा आनी	आधुनिकीकरण आनी क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण ड्रेजींगाचो प्रस्ताव ना.

	खारीवाड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाचे विस्थापन, बायणा किना-यावेल्या रेंवेच्या ढिगा-यांचो विध्वंस आनी MPT गेट 9 वेल्यान NH 17B खातीर उड्डाण पुलाच्या बांधकामा खातीर (जें NH4A क बेळगांवा जोडता) झीज प्रवण देस्तेरो दोंगुल्ली भरप, NH 17B च्या मीसींग लींका खातीर लोटलींतल्यो खाजन जमनी भरप आनी खांडेपारा NH4A च्या विभागात दोंगुल्लेची कापणी आनी झाडां तोडप आदी. ही सगली कामां कोळसो विस्तारा खातीर आसात आनी काम सुरु करच्या आदी हाचो अभ्यास करुंक जाय आशिल्लो. • राज्य सरकार, MPT आनी केंद्र सरकारान मुद्दाम हे सत लोकांकडल्यान लिपयला आनी ईओए अधिसुचोवणे खाला दिल्ल्या प्रमाण पुराय प्रकल्पा खातीर ईआयए अभ्यास करीनास्तना हे काम फुडे व्हेला. • ईआयए अधिसुचवणे खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना म्हणुन, हो प्रस्ताव न्हयकारुंक जाय आनी जमीन आनी न्हंयांचो तळ परत आशिल्लो तसो करुंक जाय	ईआयए अहवाल आनी हेर वैदानीक सादरीकरणांत स्पश्टपणान नमुद केला की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदराच्या बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्सांच्या आधुनीकीकरणाचो आसा. धक्को/सागरी वटेन कसलोच बदल प्रस्तावीत ना.
xix.	हवामान बदल, ग्लॉबल वॉर्मींग: • भारताची संसारीक समुदाया कडेन बांधीलकी, जी ताच्या INDC त घोशीत केल्ली, त्या प्रमाण जीवाश्म इंधनाच्या वापरात 2030 मेरेन 40% उणाव हाडुंक जाय. कोळसो साधनसुविधेत वाड ही भारताच्या जीवाश्म इंधन उणो करपाच्या बांधीलकेत फुडे वचपी वाट न्हय. • NASA आनी हेर संशोधनात्मक संस्थांच्या संकेतस्थळार प्रदर्शीत केलां त्या प्रमाण संसारीक सरासरी तापमान वाडीचो दर भयानक आसा आनी आमी बेगोबेग काळसो साधनसुविधा उणी करपाक जांय. कोळश्याच्या वापराच्या वाडी खातीर हो आसा, मात हवामान बदल वा ग्लॉबल वॉर्मींगा वीशी ईआयए अहवालात उल्लेख ना, हांतुतल्या अशे दिसुन येता की प्रकल्पाचे अती महत्वाचे पैलू मुद्दाम लिपयल्यात.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो बंदर टर्मीनलाचेर कोळसो हाताळणी खातीर आसा. आधुनीकीकरण आनी सद्याच्या क्षमतायेचो बरो वापर करच्या खातीर प्रस्तावीत ब-या कार्यक्षमतायेचो परिणाम म्हळ्यार क्षमतायेत वाड. संसारीक हवामान बदल मुद्दयाचेर उपाय करप हे ईआयए व्याप्तीच्या भायर आसा.
xx.	एकठाय परिणाम मतीत घेवपाक अपेस: • झुवारी न्हंय आनी तीचे मुख, मुरगांव आनी सांकवाळे खाडीतले आनी चिखलीतले किनारी उदक प्रदुशणाक लागुन आनी मनश्याचो वावर जशे की मायनींग, बंदरावेलो वावर, जहाज आनी बार्जीची बांधणी आनी दुरुस्ती, लोकवस्ती, शारीकरण, पर्यटन आनी उद्देग हाका लागुन परिणाम जाला. ईआयए अहवालात हया वावराचो आनी तांच्या एकठाय परिणामाचो कसलोच उल्लेख ना.. • ईआयए अभ्यासात हया वाठाराच्या किना-याची व्हडा प्रमाणातली झीज मतीत घेतली ना. सल्लागारांच्या मर्यादीत दृश्टीकोनाक लागुन चुकील्ले कांय महत्वाचे मुद्दे आसात; m. मायनींगाची परतुन सुरवात - माननीय उच्च न्यायालयान गोंयात नव्यान लोह खनीजाच्या खणकामाक परवानगी दिल्या. व्हडा प्रमाणांत खणकाम सुरु जाल्ल्यान समुद्र आनी न्हंयाचे व्हडा प्रमाणात प्रदुशण जातले आनी नुस्तेमारी, सागरी जिवीत आनी मार बशिल्ले नुस्तेकार हांचेर व्हडा प्रमाणात परिणाम जातलो.	EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. आधारभूत पर्यावरणीय देखरेख MPT वाठारातल्या हेर सद्याच्या उद्देग /ऑपरेशन्सातल्यान जावपी प्रदूशण मतीत घेता. मापदंडाची देखरेख सुवातों अशे तरेन वेंचल्यात की ते वाठारातल्या वेगवेगळ्या स्त्रोतांकडल्यान जावपी प्रदूशणय दाखोवन दीता. वेगवेगळ्या पर्यावरणीय मापदंडाच्या नमुनो सुवातांचो तपशील पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, प्रकरण 3 हांगा दिला. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. निरीक्षण समा ना. प्रकल्प वाठाराचो किनारीरेशा दर्जो प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो,

	n. पर्यटन- पर्यटन हो गोंयच्या अर्थदेवस्थेचो कणो आसा आनी हरीत आनी नितळ प्रतीमेक लागुन पर्यटक भेट दितात. कोळसो हाताळणीक वाड केल्यार डॉल्फीन्स पळोवप, कोरल रीफ डायवींग आदी, तशेच दर्या देंगो, वास्को शार आनी विमानतळ वाठाराचेर जाल्ल्या परिणामांक लागुनय गोंयच्या पर्यटन संकल्पनेत भरपुर उणाव येतलो. o. नुस्तेमारी- मानवनिर्मीत वावराक लागुन गोंयची नुस्तेमारी नुस्त्याच्या साठ्याच्या उणावाची खर हानी सोसता. ते उणावाच्या गंभीर पांवड्यार पावला. ईआयए अहवालात गोंयची नुस्तेमारीची भलायकी मतीत घेना. p. किनारी झीज - गोंयच्यो रेंवाळ दर्यादेगो खर झीज सोसतात आनी ताचो दस्ताऐवज तयार केला. ड्रेजींग आनी व्हडा प्रमाणातलो वावर आनी जहाजांचो आकार झीज आनीक वाडयतले आनी अभ्यासात हे सत मतीत घेतले ना. q. रियल इस्टेट आनी शारीकरण - शारीकरण आनी रियल इस्टेटीक लागुन न्हंयो, समुद्र आनी जमनी सयत अभ्यास क्षेत्रात गंभीर परिणाम जाल्यात, जाका लागुनसागरी आनी जमनीच्या पर्यावरणाचेर तशेच अर्थवेवस्था आनी गोंयच्या समाजाचेर खर प्रदूशण, झीज, गाळ साचप आनी हेर न्हयकारी परिणाम जातात. ईआयए अहवालात हया परिणामांचो संदर्भ ना. r. गोंयची वहन क्षमताय - गोंयची ल्हान जमीन आनी उदका मार्ग पारंपारीक रितीन वापरतात आनी ताका लागुन शाश्वत अर्थीक आनी सामाजिक उदरगत जाल्या. आयज तीच जमीन आनी उदक खाजगी लावाखातीर जशे की जशे की अदानी आनी JSW, 5 तारांकीत हॉटेलां, क्रुज जहाज पर्यटन, कसीनो, मरीना, उद्देगीक वाड, शीक्षणीक आनी वैजकीय संस्था, रीयल इस्टेट, मायनींग आनी साधनसुवीधा प्रकल्पां हांच्या खातीर वळयला, जाका लागुन गंभीर संघर्श जाल्यात. हे आवश्यक आसा की, गोंयचो सद्याचो अर्थीक वावर आनी तांचो एकठाय परिणाम मतीत घेवन राज्याची वहन क्षमताय आदी पळोवची.	विभाग 3.14, पान क्र. 3-16 दिलां. a. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. b. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. c. ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, कोश्टक 3.14, पान क्र. 3-75 हांगा दिल्ले म्हायतीत 2011ते 2015 काळांत सागरी नुस्ते उत्पादनात वाड जाल्ल्याचे दाखयता. (स्त्रोत- नुस्तेमारी संचालनालय, गोंय सरकार). d. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. e. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. f. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना.
xxi.	अपुरो आनी उथळ ईआयए अभ्यास: प्रकल्पा खातीर केल्लो ईआयए अभ्यास सकयल दिला त्या प्रमाण पुरायपणान दोशपुर्ण, अपुरो आनी ईआयए अधिसूचोवणेचे पुर्ण उल्लंघन करता; a. फॉर्म I त सत पुरायपणान लिपयला : • फॉर्म I ची प्रत उपलब्ध ना. PP न फटीचे फॉर्म I सादर केला. प्रकल्पात बंदर आनी प्रवेश कालव्याचे ड्रेजींग, कोळसो हाताळणीत वाड आनी ताचो परिणाम म्हण प्रदूशण, सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण आनी NH 17B आनी 4A चे बेळगाव मेरेन चार पदरीकरण हे सत तांतुत लिपयील्ल्यान ते अपुरे आसा. • अभ्यास क्षेत्रातल्या असंख्य अनुसुचीत I प्रजाती आनी प्रवाळी आनी गोंयच्या पारंपारीक नुस्तेमारी खाडीचे सामाजिक-अर्थीक महत्व फॉर्म I त सुचीत करुंक जाय आशिल्ले. b. तीनूय अभ्यास वयले वयले आसात आनी अहवालात डेटा कॉपी पेस्ट केला.: तीनय अभ्यास एकाच	निरीक्षण समा ना. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. a. भोवशीक सल्लोमसलती खातीर प्रसारीत केल्ल्या ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो फॉर्म I भाग आशिल्लो. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या

	वेळार एकच सल्लागार WAPCOS हांणी केलां. तीनय अभ्यासात पुराय वळख आनी कांय भाग कॉपी पेस्ट केला. ईआयए अभ्यासात अभ्यास क्षेत्राच्या सामाजिक -अर्थीक आनी पर्यावरणीय वास्तवाकडेन आडनदर केल्या. c. अपुरो आनी अपुर्ण ToR: ToR लेगीत उपलब्ध ना, मात सहाजीकच तो पुरायपणान अपुरो आसा कारण न्हंयाचे ड्रेजींग, येरादारी साधनमुविधा, वाडिल्ले कोळसो हाताळणी ऑपरेशन्स आनी ताचो परिणाम म्हण लोक आनी पर्यावरणाचेर पडपी प्रभाव हे प्रकल्पाचे भाग मतीत घेवपाचे निर्देश सल्लागाराक दिंवक ना. कोरल रीफ, अनुसूची I तल्यो प्रजाती आनी नुस्तेमार समुदायाचो उल्लेख करपाक आयिल्ले अपेस हाका लागुन ToR अदीक असंबद्ध आनी अपुरो जाता. d. साहित्याक अभ्यास आनी दुय्यम डेटाचो संदर्भ घेवपाक आयिल्ले अपेसईआयए सल्लागारांक भोवशीक क्षेत्रात उपलब्ध आशिल्ले दस्ताऐवज आनी WWF, NIO आदींनी अभ्यास क्षेत्रातल्या समृद्ध वनस्पत आनी प्राणी जैववीवीधतायेचेर (डॉल्फीन्स, व्हेल, समृद्ध कोरल रीफ आनी अनुसूची I तली स्थळाच्या मूळाची वनस्पत आनी प्राणी) केल्ल्या अभ्यासाचो संदर्भ घेवपाक अपेस आयला. अभ्यास क्षेत्रातली व्हडा प्रमाणातली पारंपारीक नुस्तेमारी आनी समृद्ध नुस्तेमारी आनी तांचे अर्थीक महत्व. वास्कोतल्या थळाव्यांक तोंड दिवचे पडता ती जुनाट कोळसो प्रदुशणाची समस्या आनी GSPCB कडल्यान जायत्यो नोटीशी मेळुनय ह्यो समस्या सुटाव्यो करपाक कंपनीक आयिल्ले अपेस. e. मुळावो अभ्यास करुंक आयिल्ले अपेस: अभ्यास क्षेत्राच्या 10 किमी परिघातल्या पर्यावरणीय आनी सामाजीक अर्थीक विशयाचेर कसलोच मुळावो अभ्यास करुंक ईआयए सल्लागारांक अपेस आयला. कोळसो प्रदुशणाचो मुद्दो अधोरेखीत केल्ल्यान रहीवाश्यांक तोंड दिवचे पडतात त्या वायु प्रदुशणा कडेन संबंधीत भलायकेच्या मुद्दयाचेर प्रस्तावकान तपशीलवार अभ्यास करपाची गरज आसा. f. पुरायपणान चूकीचो आधारभूत डेटा: अर्थपूर्ण आधारभूत डेटा नाशिल्ल्यान ईआयए अभ्यास फटीचो आनी असंबद्ध जाता. देखीक, अभ्यास क्षेत्रात डॉल्फीन, व्हेल, कोरल रीफ, नर्सरी आदी ना अशे म्हणून, अभ्यास क्षेत्राच्या जैववीवीधताये कडेन ईआयए अभ्यासात पुरायपणान आडनदर केल्या. अभ्यास क्षेत्रात रावपी नुस्तेमार आनी तांचेर निंबून आशिल्ल्यांचो आकडो जो दिला ताचे परस खुप अदीक आसा. ड्रेजींग आनी कोळसो हाताळणीक लागुन जावपी नुस्तेमा-यांच्या अर्थीक आनी सामाजीक विस्थापनाचे प्रमाण दिवपाचो यत्न करुंक ना. g. ईआयए अहवालात निराधार वक्तव्यां: ईआयए अहवालात संदर्भ दीयनास्तना वक्तव्यां केल्यात. h. गंभीर विध्वंसक परिणाम मुद्दाम लीपयल्यात: सल्लागारान अभ्यास क्षेत्राच्या पर्यावरणीय, अर्थीक आनी सामाजाचे प्रत्यक्ष स्वरुप फटींग दिला आनी लिपयला. पर्यावरण आनी सामाजिक -अर्थववस्थेचेर परिणाम खुप कमी जातलो अशे फटींग चित्र निर्माण करच्या खातीर आधारभूत डेटात फटींगपणा करप. i. अपुरे तज्ञ आनी अभ्यास: कोळसो आयातीतली वाड, रेंव न्हयेचे ड्रेजींग हाका लागुन लाखांनी	वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले. फॉर्म 1 हे ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) प्रमाण ईआयए पूर्व सादरीकरण. पर्यावरणीय घटकांचो तपशील ईआयए अभ्या उपरांत सादर करुंक शकतात. b. आमचो प्रकल्प हो MPT न प्रस्तावीत केल्ल्या हेर दोन प्रकल्पांच्या परिणाम वाठाराचो भाग आसा (जशे की, 1. कॅपीटल ड्रेजींग आनी 2. धक्को 8 आनी 9 आनी बार्ज धक्क्याची सुधारणा), हे खुप तर्कशुद्ध आसा की ईआयए अहवालातले कांय घटक समान आसतले. M/s WAPCOS लि., भारत सरकार हांका ईआयए अधुसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) वा हेर खंयचेय परिपत्रक/ OMs /नोटीसी वा MoEFCC ची हेर कळोवणी वा हेर खंयच्याय वैधनीक मंडळाच्या चौकटे खाला खंयचेय सुवातेर प्रकल्प घेवपाक निर्बंध ना. c. ToR हो भोवशीक सल्लोमसलती खातीर फीरयील्ल्या ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो वाटो आशिल्लो. न्हंयांचे ड्रेजींग हे अधुनीकीकरणाचो भाग ना. d. वेगवेगळ्या सरकारी संघटनां कडल्यान प्रकल्प वाठारा खातीर संबंधीत साहित्यीक सर्वेक्षण आनी दुय्यम डेटा एकठाय करपाचो वावर केला आनी ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात नोंद केला. p. मुळावो आधारभूत अभ्यास सरभोवतणची हवा, आवाज, उदक (भूजल, पृश्ठभाग - समुद्री उदका सयत), माती (सागरी गाळा सयत), सागरी आनी जमनीच्या पर्यावरणीय आनी जैवीक मापदंड, खातीर केला आनी ताचे तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात दिल्यात. प्रकल्पाच्या वाठाराची जवसंख्यांकी रुपरेशा जनगणना अहवाल, 2011 चेर आधारीत आसा. ह्या प्रकरणात दिल्ली म्हायती मुखेलपणान मुळावो जनगणना गोशावरा 2011 तल्यान घेतल्या.

	रहीवाश्यांचेर गंभीर परिणाम जातले, कारण ताच्या परिणामांचो ह्या आदीच अणभव घेतला. मात, सद्याच्यो भलायकेच्यो समस्या आनी ताची संभाव्य वाड हाचेर अभ्यास करुंक ना. ड्रेजींग, जहाजांचो वाडील्लो आकडो आनी आकार आनी कोळसो हाताळणीचो सागरी जिवीत, जेवविवीधताय, नुस्तेमारी आनी नुस्तेकारांची उपजिवीका हांचेर परिणाम ह्या वीशी योग्य अभ्यास करुंक ना. j. सुधारणा मतीत घेंवक ना: ईआयए अहवालात पॅरा 3.7 त म्हळां, "आवश्यक बॅकअप वाठाराची गरज पुराय करुंक हॅडलॅड देंवती आनी प्रवेश कालव्या मदल्या जमनीची सुधारणा करुंक जाय." मात, ही म्हायती फॉर्म I त दिसुंक ना आनी अहवालात मतीत घेंवक ना. k. तयार केल्ले परिक्षण परिणाम: 3.10 त वायु परिक्षण निकाल पुरायपणान तयार केल्ले आसात, जे नोंद केल्ल्या उण्या रीडींगा वेल्यान दिसता, जे समस्ये बगरच्या शारातय अशक्य आसात. सगल्यो PM10 नोंदी फटीच्यो आसात आनी वास्कोत प्रदुशण ना हे दाखोवपाचें यत्न करतात. l. मनमानीपणान हेत सांगला, विचारात लेगीत घेवुंक ना: EMP कडेन संबंधीत प्रकरण 5.1 त म्हळां "ईआयए अभ्यासात EMP चे महत्व म्हळ्यार पर्यावरणावेलो ताण/भार हो वहन क्षमताये भीतर आशिल्ल्याची खात्री करप. मात पर्यावरणाची वाहन क्षमताय आनी पर्यावरणावेलो ताण हाचे प्रमाण दिंवक ना. m. पर्याय: प्रस्तावीत प्रकल्पाक खंयचोय पर्याय विचारात घेवपाचो यत्न सल्लागारांनी करुंक ना. पर्यावरणीय आनी सामाजिक-अर्थीक विद्वंस मतीत घेयनास्तना गोंया वरवी कोळसो आयात वाडोवपाचो पयलीच विचार केल्लो निर्णय हांतुत दिसता. आयात केल्ल्या कोळश्या परस देशी कोळसो वापरपाचो विचार मतीत घेवपाक अपेस. n. खर्च आड लाव: खर्च आड लाव हाचेर अभ्यास करुंक ना. आधारभूत डेटा वा खर्च आनी प्रकल्पाचे लाव हांचे प्रमाण थारावपाचो यत्न करुंक ना.	सामाजिक -अर्थीक अभ्यासा खातीर मुळावो आधारभूत डेटा एकठाय करुंक ना कारण प्रस्तावीत प्रकल्पाचो थळाव्या रहिवाशींचेर कसलोच प्रत्यक्ष आनी उल्लेखनीय न्हयकारी परिणाम जायना, कारण क्षमताय वाड प्रकल्पात भुंय संपादनाचो प्रस्ताव ना. आमच्या क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. e. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्दयाक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. f. साबार दुय्यम डेटा स्त्रोतांचेर आधारुन ईआयए तयार केला, जांका ईआयए अहवालाच्या वेगवेगळ्या प्रकरणात योग्य श्रेय दिलां. g. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्दयाक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. h. आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना. i. सागरी वाठार विस्तार हो आधुनिकीकरण प्रकल्पाचो भाग ना, म्हणुन समुद्रात सुधारणा हो प्रकल्पाचो भाग ना. j. निरीक्षण समा ना. k. प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5., पान क्र. 5-1 त केल्ले वक्तव्य हे प्रकल्प वावराकडले न्हयकारी परिणाम ताब्यात दवरपा खातीर /सुधारपा खातीर योग्य आनी अनुरुप EMPs घालुन दिवपाच्या आधाराच्या संदर्भात केल्ले. सद्याचे ऑपरेशन्स वा प्रस्तावीत क्षमताय वाडीच्या बाबतीत खंयचेय पर्यावरणीय मापदंड तांच्या वहन क्षमताये मेरेन पाविल्ल्याचे ईआयए अहवालात दाखयना. l. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्या. टर्मीनल सुवीधेचे हे आधुनीकीकरण. म्हणुन पर्यायांचो अभ्यास करपाची गरज ना. m. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 (दुरुस्त), परिशिश्ट III, Sr. 9 प्रमाण MoEFCC न जारी केल्याधि अतिरीक्त ToR चो भाग म्हण आस्पावीत केल्यारुच खर्चाच्याचो लावाचे मुल्यांकन करप गरजेचे आसा.
xxii.	स्थीरताय आनी जतनायेची तत्वां मतीत घेंवक ना: ईआयएत खंयच 'स्थीरताय' वा जतनायेचे तत्व' हे शब्द नमुद करुंक ना. आमी ईआयए अभ्यास न्हयकारतात, कारण ते पुरायपणान फटीचे आनी ईआयए अधिसुचोवणेचे	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.

	उल्लंघन करतात. आमी ह्या प्रकल्पात विरोध करतात कारण तो गोंयचे नुस्तेमार, वास्को द गामा, मुरगावचे रहिवाशी आनी मार बशील्ले हेर नागरीक, गोंयच्या हेर वाठारातले रहिवाशी आनी गोंयतल्या समुद्री आनी न्हंयातल्या सागरी जीवीताच्या हीता आड आसाच, सांगात राष्ट्रीय आनी संसारीक हिताच्या आड आसा.	
88. एल्वीस गोम्स, आप गोंय राज्य निमंत्रक, वास्को **89. गोंयच्या रापोणकारांचो एकवट, मुरगांव** **90. ओल्ड क्रॉस नुस्तेमारी बोट धनी सहकारी सोसायटी ली, वास्को** **91. बायणा रापोणकार आनी नुस्तेमारी बोट धनी सोसायटी, वास्को** **92. कुस्तेदीयो डिसोझा, गोवा अगेन्स्ट कोल, वास्को**		
i.	बेकायदेशीर भोवशीक सुनावणी: सकयल्या मुद्द्यांक लागुन भोवशीक सुनावणी बेकायदेशीर आसा; a. याचिका 10/2016 तलो NGT चो निकाल मतीत घेवपाक MoEF क अपेस आयला - NGT च्या निकाला प्रमाण, प्रकल्प आनी संबंधीत ड्रेजींग आनी रेल्वे आनी रस्तो जोडणी एका प्रकल्पाचो वांटो आसात कांय कीते हे MoEFCC न मतीत घेवपाक जाय आसले, मात MoEFCC न नियाळ घेंवक ना आनी ईआयए अभ्यास आनी PH हे NGT च्या निर्णयाचे पुराय उल्लंघन करुन घेतला. b. ईआयए अहवाल पंचायतींत उपलब्ध ना - ईआयए अहवाल प्रकल्पाचो मार बशिल्ल्या कांय पंचायतींक उपलब्ध करुन दिला, मात हेर जशे की चीखली, चिकोळणा, सीरीदाव-पाले, ताळगांव आनी कुडका बांबोळी पंचायतीक दस्ताऐवज दिंवक ना. अहवालाचो नियाळ घेवन PH त वाटेंकार जावपाचो गांवातल्या नागरीकांचो हक्क हिरावन घेतला. c. फॉर्म I संकेतस्थळाचेर उपलब्ध ना - फॉर्म I पंचायत आनी GSPCB च्या संकेतस्थळार लेगीत उपलब्ध ना	a. टिप्पणी पीपी खातीर करुंक ना. b. उपकार करुन 7(i) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. c. फॉर्म I ईआयए अहवालाचो भाग आशिल्लो जे भोवशीक सुवातांनी प्रदर्शीत केल्ले आनी GSPCB च्या संकेतस्थार घाल्ले.
ii.	मार्गदर्शन पुस्तीकेक पाळो दिंवपाक अपेस: MoEFCC न बंदर आनी हार्बरा खातीर तयार केल्ल्या ईआयए मार्गदर्शन पुस्तीकेचे अनुपालन करुंक अभ्यासात अपेस आयला अशे ईआयए अहवालात सकयल्या मुद्द्यावेल्यान दिसता; a. मार्गदर्शन पुस्तीके प्रमाण सद्याच्या प्रकल्पाच्या पर्यावरणीय अनुपालन विधानाचे दिंवक ना (पॅरा: 1.9, (5) b. रेल्वे जोडणी खातीर रेल्वे रुळाच्या दुपदरीकरणाची गरज आसा आनी NH 17B आनी NH 4a तल्यान रस्तो जोडणी खातीर रोनां (संवर्धन) कायदो, 1980 आनी रानांजीव (राखण) कायदो	a. RO MoEFCC बंगळुरु आवश्यकताये प्रमाण अनुपालन निवेदन जारी करपाच्या प्रक्रीयेत आसा. b. उपकार करुन 85(vi) and 85(vii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात

	1972 खाला मान्यताय घेंवपाक जांय, मात पुस्तेकेच्या पॅरा 1.9 प्रमाण हे सत लिपयील्ले. c. आवश्यक नकाशे उपलब्ध करुंक जांय, जशे की हायड्रोग्राफीक चार्ट (पुस्तीकेचो पॅरा 2.1) मात कांयच उपलब्ध करुंक ना. d. बेथीमैट्रीक डेटा उपलब्ध करुंक जाय (पुस्तीकेचो पॅरा 2.2) मात उपलब्ध करुंक ना. e. ईआयए अहवालात, रेल्वे रुळाच्या दुपदरीकरणाचो आराखडो आस्पावीत करुंक ना, "सद्याची जोडणी अशे तरेन वाडोवपाची गरज आसा की साधनसुविधेत गर्दी जावची ना" अशे ईआयए अहवालात मान्य केला (पुस्तीकेच्या पॅरा 2.8 प्रमाण) f. पुस्तीकेच्या प्रकरण 3 कडेन आडनदर केल्या. पर्याय हया आदीच उपलब्ध आसात जशे की उदेंतेक बंदर, बरे तरेन सज्ज आसपा खातीर जाचो अहवालात आस्पाव केला आनी कसल्याच विस्ताराची गरज ना. म्हणुन पर्याय मतीत घेतल्यार हया विस्ताराची गरज ना.. g. IA अहवालात चडश्या गुणधर्माचेर मुळावो डेटा दिवपाक पुरायपणान अपेस आयला, जाल्यार फक्त 10 किमी खातीर डेटा एकठाय केला जो पुरायपणान अपुरो आनी अपुर्ण आसा. पुस्तीकेच्या पॅरा 4.1 प्रमाण, मुळावो आधारभूत डेटा (वायु, उदक, आवाज, माती, आदी) प्रकल्पाच्या शीमे कडल्यान 5 किमी आनी दुय्यम डेटा 15 किमी हवाई अंतराचेर अशे, ईआयए अधिसुचोवणेच्या फॉर्म I खातीर, भाग 9 (III) त नमुद केला. h. जमनीचो आधारभूत डेटा, वाठाराची वळेरी, जमीन आनी जनसांख्यीकी रुपरेखा अनुपालना खातीर उपलब्ध केला जाचे कडेन आडनदर केल्या (पुस्तीकेच्या पॅरा 4.2.1 प्रमाण). i. प्रदेशाची रचना आनी राज्यां कडेन संबंधीत पुस्तीकेच्या पॅरा 4.2.2, प्रदेश रचनेचो आवश्यक आधारभूत डेटा दिंवक ना. j. भूगोल आनी राज्यां कडेन संबंधीत पुस्तीकेच्या पॅरा 4.2.3 प्रमाण, भौगोलीक स्थीती आनी मुखेलपणान किनारी भागाचो आधारभूत डेटा दिंवक ना. k. माती आनी राज्यां कडेन संबंधीत पुस्तीकेच्या पॅरा 4.2.4 प्रमाण, जंय ड्रेजींगाचो आस्पाव आसा थंय प्रस्तावीत ड्रे खोलायेच्या 10 मी पोंदा मेरेनच्या मातयेची भू तंत्रीक वैशिश्ट्यांचो आस्पाव अहवालात करुंक ना. l. किनारी उदका खातीर (पुस्तीकेचो पॅरा 4.3) 'नेमुन दिल्ल्या उत्तम वापराचे' जल दर्जो मानक मतीत घेवपाक अहवालात अपेस आयला, खासा करुन चिखले, सांकवाळे आदी सुवातांच्या लागसार शेल फीशींग आनी जैव-संवेदनशील क्षेत्र आशिल्ल्यान. m. पुस्तीकेचो पॅरा 4.4.1 किनारी हायड्रोलोजी / भू आकृती विज्ञाना कडेन संबंधीत आसा आनी बांधा-यांचे बांधकाम आनी केपीटल ड्रेजींग करतले जाल्यार समुद्र विज्ञान डेटा एकठाय करपाची गरज आसा, मात, प्रस्तावीत वाड प्रकल्पा खातीर ड्रेजींगाची गरज आसुनय अशे तरेचो अभ्यास करुंक ना. n. पुस्तीकेच्या पॅरा 4.4.2 प्रमाण वेगवेगळ्या मापदंडांची मेजणी करुन तळातल्या गाळाची घाण पळोवच्या खातीर प्रकल्पाचे सुवातेर आधारभूत डेटा एकाठाय करुंक जाय, मात अशे तरेचो डेटा	c. CRZ नकाशे ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो भाग आशिल्ले. d. आवश्यकयात ना, कारण हया आधुनिकीकरण प्रकल्पात समुद्री वाठार विस्ताराचो आस्पाव ना. e. उपकार करुन 85(vi) आनी 85(vii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात f. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या टर्मीनल सुविधेचे हे आधुनीकीकरण. म्हणुन पर्यायांची गरज ना. g. ईआयए मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण आनी मान्यतायप्राप्त ToR प्रमाण, वायु, उदक, आवाज, पर्यावरण आनी भुंय पर्यावरणाचो तपशीलवार आधारभूत दर्जो (5 किमी कडेन मुळावो आधारभूत डेटा आनी 10 किमी कडेन दुय्यम) ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात दिला. h. भुंय वापर नमुन्याचो तपशील ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.13, पान क्र. 3-14 आनी विभाग 3.20.1, पान क्र. 3-77 त जनसांख्यीकी रुपरेशा हांतुत दिला. i. भुंय वापर नमुन्याचे भौगोलीक तपशील ईआयए अहवाल प्रकरण 3, विभाग 3.13, पान क्र. 3-14 हांगा दिल्यात. j. कसल्याच अतिरीक्त भुंय वाठार उदरगती बगर हे सध्याच्या बंदर सुविधेचे आधुनिकीकरण, म्हणुन वाठाराच्या भूगर्भशास्रात चो अभ्यास करपाची गरज ना. k. आधुनिकीकरण प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना. l. विश्लेशण केल्ले उदकाच्या दर्या ांचे मापदंड हे बंदर आनी हार्बर खातीरच्या उदकाच्या "वर्ग IV" च्या मान्यतायप्राप्त मर्यादेत आसात. m. प्रकल्पात अतिरीक्त सागरी वाठार उदरगत जशे की बांधा-यांचे बांधकाम, ड्रेजींग आदींचो आस्पाव ना. n. विखारी अवजड धातुं खातीर तळातल्या गाळाचे विश्लेशण ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.3, पान क्र. 3-41 हांगा दिला

	अहवालात आस्पावीत करुंक ना.. o. पॅरा 4.4.3 प्रमाण सामान्यपणान वेगवेगळ्या खोलायेचेर नमुनो घेवपाची गरज आसा, मात असे तरेचे नमुने घेवुंक ना. p. उदकाच्या जैवीक पर्यावरणा खातीरच्या आधारभुत दर्ज्या कडेन संबंधीत पुस्तीकेच्या पॅरा 4.5 प्रमाण जमीन, किनारी आनी सागरी हॅबीटेट अभ्यासात एकठाय करुंक ना. q. पॅरा 4.5.1 त सागरी/किनारी पर्यावरणाची म्हायती दिल्या, जांतुत बॅक्टेरीया, phyto, zoo, बेंथोस, प्रवाळी, समुद्री तण, शेलफीश, नुस्ते आनी हेर जलीय जीव हांच्यो प्रजाती, जमनीवेली वनस्पत जशे की चीपांची झाडां, आनी आर्द्रभूंय हांचो आस्पाव आसा. मात, सागरी/किनारी पर्यावरण वा प्रस्तावीत ड्रेजींगाचो वनस्पत आनी प्रण्यांचेर परिणाम हांचो अब्यास करुंक ना. r. पुस्तीकेच्या 4.5.2 पॅरात लागसारचो वाठार आनी राज्यांतल्या वनस्पत आनी प्राण्या वीशी आसा. मात, पुस्तीकेत दिल्ल्या प्रमाण दुय्यम डेटा एकठाय करुंक ना. s. पॅरा 4.6 वायु पर्यावरणा कडेन संबंधीत आसा आनी तपशीलवार हवामानसाश्त्रीय डेटा एकठाय करपाची गरज आसा जो अहवालात एकठाय करुंक ना. CPCB नेमां प्रमाण प्रकल्पा शीमे कडल्यान 5 किमी वाठारा मेरेन वायु दर्जो मापदंडाचो आधारभूत डेटा मान्सुन सोडुन एका मोसमा खातीर एकठाय करुंक जाय. मात तो एकठाय करुंक ना. t. सामाजिक-अर्थीक आनी वेवसायीक भलायकी पर्यावरणाच्या संबंधान, पुस्तीकेत जांय आशिल्लो सामाजीक-अर्थीक डेटा दिवपाक अहवालात अपेस आयला. u. पुस्तीकेचो पॅरा 4.10 भोवशीक उपयुक्तताय जशे की रस्तो, रेल्वे आनी अंतर्गत उदका मार्गाचो आस्पाव आसा. मात, वेगवेगळ्या भोवशीक उपयुक्ततायेचेर जावपी थेट परिणाम मतीत घेवपाक अहवालात अपेस आयला, जशे की दाबोळी विमानतळ, जो बंद जावपाचो भंय आसा कारण NH 17B आनी NH 4A कार्यान्वीत जाल्या उपरांत ताच्या प्रवेश मार्गार कोळसो ट्रकांची येरादारी जातली. v. पुस्तीकेच्या प्रकरण 5 त पर्यावरणाच्या वेगवेगळ्या घटकांचेर जावपी परिणामांच्या मुल्यांकना खातीर तपशीलान मार्गदर्शक तत्वां दिल्यात. धक्क्याच्या क्षमताय वाडी खातीर आवश्यक ड्रेजींगाक लागुन सागरी आनी किनारी पर्यावरण, वनस्पत प्राणी, नुस्तेमारी, नुस्तेमार समुदाय आनी गोंयच्या लोकांचेर जावपी परिणाम मतीत घेवपाक अहवालात अपेस आयला w. प्रकल्पाचे फायदे आनी खर्चाच्या फायद्याचे विश्लेशण अहवालाच्या प्रकरण 8, 9 त आस्पावीत करुंक जांय.	o. समुद्री पर्यावरण नमुने पृश्ठभाग आनी पोंदातल्या उदकाचे घेतल्यात. p. समुद्री आनी भुंय पर्यावरण डेटा ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17, पान क्र. 3-28 आनी विभाग 3.18 पान क्र. 3.63 हांगा क्रमान दिला. q. सागरी पर्यावरण डेटा ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17, पान क्र. 3-28 हांगा तपशीलान दिला. r. सागरी पर्यावरण डेटा ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17, पान क्र. 3-28 हांगा तपशीलान दिला. s. 16.09.009 तारखेच्या CPCB मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण एकठाय केल्लो 5 किमी प्रकल्प क्षेत्रातलो वायु दर्जो डेटा ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, विभाग 3.15, पान क्र. 3-17 हांगा दिला. t. सामाजिक अर्थीक डेटा ईआयए अहवाल प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत डेटा, विभाग 3.20.1, पान क्र. 3-77 हांगा दिला. u. उपकार करुन 85(vi) आनी 85(vii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात v. आधुनिकीकरण प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना, म्हणुन उल्लेखनीय ना. w. उपकार करुन 93(xii.l) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
iii.	फॉर्म I- पुराय फटींगपणा आनी लिपयला: सादर केल्ल्या फॉर्म I त, बंदराचे ड्रेजींग, रेल्वे जोडणी आनी रस्तो जोडणी क्षमताय वाडी खातीर आवश्यक आसुनय, धक्क्याच्या क्षमतायेची वाड ही एकोडी आसा अशे चित्र तयार केला. फॉर्म I खंडन करता की कलम II, 9, 9.1 खाला म्हणता की, प्रकल्पाची काळजी घेवच्या खातीर सद्याच्या साधनसुविधेचो विस्तार करतले.	2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना.

	फॉर्म I त फटींग सांगला की, अशे परिणामांचे सद्याचे आनी येवजण केल्ले हेर प्रकल्प ना, जेन्ना अदानीचे कोळसो हाताळणी 7 धक्के, हे 5a, 6A धक्क्याक तेंकुन आसात.	
iv.	लोकांचो सहभाग – संविधानाचे उल्लंघन: भारतीय संवीधानाच्या, 74 वे दुरुस्ती प्रमाण, वास्को सारख्या लागीच्या शेजारा कोळसो हाताळणी वाडोवपा सारख्या महत्वाच्या निर्णय प्रक्रियेत लोकांच्या सहभागाची गरज आसा. निर्णय प्रक्रियेत वास्कोच्या लोकांचो संविधानीक सहभाग जाल्या उपरांतच हो प्रकल्प आनी ईआयए अभ्यास मतीत घेवचो.	भोवशीक सल्लोमसलत ही ईआयए अधिसुचोवणी 2006 प्रमाण ईसी प्रक्रीया, जी लोकांच्या मागणे प्रमाण आयोजित करतात.
v.	MPT जमीन आनी उदक बेकायदेशीरपणान वापरता: MPT न बेकायदेशीरपणान मुरगाव कोमुनीदादीच्या मालकीची जमीन आनी नुस्तेमार समुदायाच्या हार्बर आनी समुद्रातल्या उदकाचेर आपलो ताबो दवरला. जमीन वा थळाव्या समुदायाच्या हक्कांचे कसलेच प्रकारचे हस्तांतरण केन्नाच जाले ना. जमनीची मालकी तपासुन पळयनास्तना EAC/MoEF न ToR जारी करुन आपली जापसालदारकी पुराय करपाक अपेशी थारल्यात. मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठा मुखार प्रकरण सुरु आसा.	टिप्पणी प्रकल्प प्रस्तावकाक खातीर करुंक ना.
vi.	खासगी बंदरा खातीर MPT हो एक मोर्चा: हो प्रकल्प भोवशीक हीताच्या आड आसा. SWPL आनी अदानी हांका प्रचंड फायदो जावच्या खातीर फक्त आसा आनी हया खासगी म्हामंडळांच्या मालकीच्या फॅक्ट-यांखातीर हाची येवजण आसा. • हाका लागुन ग्लॉबल वॉर्मींग वाडतले -सगल्या मनीसकुळाक घातक. • हाका लागुन पुराय गोंयातलो वायु, उदक आनी जमीन प्रदूशीत जातली जाका लागुन लाखानी नागरीक ल्हवुल्हवु मरतले. • हार्बर, न्हंयो, समुद्र, खाडी आनी खाजन जमनीतले समुद्री जीवन ते मारुन वडयतले. • ड्रेजींगाक लागुन हार्बर आनी वास्को खाडी भोवतणची नाजुक आनी पर्यावरणीय-संवेदनशील दैवती कोसळतली, जाका लागुन धा हजार नागरीक विस्थापीत जातले आनी व्हडा प्रमाणात सामाजिक-अर्थीक आनी पर्यावरणीय विध्वंस जातलो.	उपकार करुन 1(iii), 4(i.d), आनी 85(i.a) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
vii.	JSW चे आदले रॅकोर्ड: कोळसो खंडात दुबावीत अनियमीततायेचो आरोप JSW चेर जाला. JSW आड 07.02.2017 दिसा, PEN, महाराष्ट्रात जेटी बांधच्या खातीर पर्यावरणीय मान्यताय घेयनास्तना चीपाची झाडां कापील्ल्या खातीर एफआयआर नोंद केल्ली.	निरीक्षण समा ना आनी प्रकल्पा कडेन संबंधीत ना
viii.	गोंया वरवी कोळश्याची आयात वाडोवपाची येवजण मुद्दाम लिपयल्या:	• आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना.

	हो प्रकल्प MPT चेर कितल्याश्याच पटींनी कोळश्याची हाताळणी वाडोवपा खातीर आसा जाची फुडे कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी आंध्रं प्रदेशांत वशील्ल्या आनी प्रस्तावीत उर्जा आनी स्टील प्रकल्पा कडेन येरादारी जातली. हाका लागुन, पर्यावरणीय आनी सामाजिक-अर्थीक परिणाम अभ्यासा खातीर कामाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीचो आस्पाव करुंक जाय आशिल्लो; • समुद्र, न्हंय आनी खाडीचे ड्रेजींग • बंदराचे धक्क्यांचे बांधकाम आनी विस्तार • बंदर न्यासा कडेन कोळश्याची हाताळणी • वाडिल्ल्या कोळश्याची कर्नाटकात येरादारी करच्या खातीर रेल्वे आनी रस्तो जोडणीचे बांधकाम • कर्नाटक आनी हेर राज्यांतले प्रस्तावीत स्टील आनी उर्जा प्रकल्प. • PP न MoEF कडल्यान कामाचे प्रत्यक्ष स्वरुप लिपोवन पुराय फटींगपणा केल्यात. • MoEF न हेर प्रकल्पांवीशी म्हायती उपलब्ध आसूनय पुराय प्रकल्प मतीत घेयनास्तना आनी ToR जारी करुन पुरायपणान चूक केल्या. • सरकारान गोंयाक अदानी, JSW आनी हेरां खातीर कोळसो हबात रुपांतरीत करपाची येवजण केल्या हे सत मुद्दाम लिपोवन दवरला. • सगली येवजण लोकां दांगडा सल्लोमसलत करुन करची अशी भारतीय संबीधानात आवश्यकताय आसा.	प्रस्तावीत आधुनीकीकरणात ड्रेजींग आसा वा ना, ताचो सध्याच्या उदरगती कडेन संबंध ना. • ह्या आधुनीकीकरणाच्या प्रकल्पा खातीर अतिरीक्त धक्को आनी अतीरिक्त वॉटरफ्रंटाची गरज ना. • प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिवक ना. • सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्यायावेल्यान येरादारी ना. SWPL कडल्यान रेल्वे रुळाच्या विस्ताराचो प्रस्ताव ना. म्हालातली वाड सध्याच्या रेल्वे साधनसुविधेत आस्पावन घेवपाक जाता. • प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिवक ना • 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयचय्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. • उपकार करुन 1(i) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. • प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिवक ना. • ईआयए अधिसुचोवणी 2006 प्रमाण भोवशीक सल्लोमसलत हो EC प्रक्रियेचो भाग आसा आनी लोकांच्या मागणे प्रमाण घेतल्या.
ix.	पर्यावरणीय कायद्याचे उल्लंघन करच्या खातीर कामाच्या व्याप्तीचे तुकडे: प्रकल्पाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीत, सद्या मुरगांव हार्बराचे ड्रेजींग (आनी फुडाराक गोंयातल्या 6 न्हंयातले),मुरगाव, साश्ट आनी तिसवाडी तालुक्यातल्यो कितल्योश्योच नुस्तेमारी सुविधा हातासप, कोळसो हाताळणी खातीर धक्को आनी जेटी तयार करप, सद्याच्या धक्क्याचो विस्तार/उदरगत, 4 पदरी म्हामार्गाचे बांधकाम आनी आमचे गांव आनी अस्तंत घाटातल्यान सावथ-वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण हांचो आस्पाव आसा. अशे दिसून आयला को PP अभ्यासात धक्को 5A आनी 6A सोडुन सगल्या हेर संबंधीत कामां कडेन मुद्दाम आडनदर केल्या, आनी म्हणुन ईआयए अधिसुचोवणेचे उल्लंघन केलां. प्रकल्प ल्हान भागांत विभागला, जे फक्त एकोडे अर्थशून्य आसात. पर्यावरण, अर्थकारण आनी गोंयाच्या समाजावेलो गंभीर परिणाम लिपोवपाचो हो कुटील यत्न आनी ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 चे उल्लंघन.	उपकार करुन 1(i), 84(iv.c), आनी 85(i.a) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
x.	गोंयच्या नुस्तेमारीचो विध्वंस: गोंया वरवी कोळसो आयातींत वाड करपाची प्रस्तावीत येवजण सागरमाला खातीरच्या निमाण्या अहवालात (खड V) दिल्या. ह्या अहवालातल्यान हे स्पश्ट जाता की मुरगांव तालुको आनी बेतुल नुस्तेमारी गांवांतलो नुस्तेकार समुदाय ह्या प्रकल्पाक लागुन पुरायपणान विस्थापीत जातलो. मुरगांव बंदरावेले प्रस्तावीत ड्रेजींग मुरगांव हार्बर आनी वास्को खाडी, चिखली आनी सांकवाळे सारख्या	6 न्हंयांचे ड्रेजींग हे आमच्या आधुनिकीकरण प्रकल्पाच्या व्याप्तीत ना. ईआयए अहवाल आनी हेर वैदानीक सादरीकरणांत स्पश्टपणान नमुद केला की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदराच्या बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्सांच्या आधुनीकीकरणाचो आसा. धक्को/सागरी वटेन कसलोच बदल प्रस्तावीत ना.

	सरभोवतणच्या वाठारातल्या नुस्तेमारीचो पुरायपणान विध्वंस जातलो. रस्ते जाळे, कार्यशाळा आनी CFs सुविधांक लागुन बाधणांतले नुस्तेमार पुरायपणान विस्थापीत जावपाचो प्रस्ताव आसा. गोंयातल्या अंतर्गत भागात कोळसो हाताळणी व्हरपाक, न्हंयो, जमनी आनी गोंयातल्या अंतर्गत वाठारातल्या गांवांत विध्वंस पातळोवच्या खातीर, 6 न्हंयाचे राष्ट्रीयकरण आनी ड्रेजींग करतात. हयो विध्वंसक येवजणो गोंयच्या नुस्तेमारी उद्देगाची पुरायपणान वाट लायतल्यो, वेगळ्या सागरी जीवीताची जैववीवीधतायेचो विध्वंस करतल्यो आनी गोंय राज्याच्या सामाजिक अर्थीक वाठाराक हानी करतल्यो.	तशेच उपकार करुन 85(i.a) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
xi.	नुस्तेमार समुदायाचे विस्थापन: गोंयातलो नुस्तेकार समुदायाक नुस्त्याच्या साठ्याचे लुकसाण, आनी शारीकरणाची वाड, पर्यटन उद्देग आनी मायनींग सारख्या गोश्टींक लागुन तयार जाल्ल्या हेर हया सारख्या समस्यांनी हया आदीच रॅंवाडो घाला, जाका लागुन नुस्तेमारीचो, नुस्तेमारी साधनसुविधा आनी नर्सरींचो विध्वंस आनी प्रदूशण जाला. कोळश्याच्या आयातीतली प्रस्तावीत वाड, ड्रेजींग आनी आवश्यक साधनसुविधांक लागुन गोंयातल्या नुस्तेमार समुदायाचे पुरायपणान विस्थापन जातले. प्रकल्पाचो आवश्यक भाग, ड्रेजींगाक लागुन आनी हया आदीच सुरु जाल्ल्या रस्तो बांधकामाक लागुन थेट मार बशिल्ले खारीवाडो, बायणा आनी देस्तेरोतल्या नुस्तेमार समुदायाचे जावपी विस्थापन आनी हानी हाचे प्रमाण दिवपाचो यत्न ईआयए अधिसुचोवणेत करुंक ना. बायणा, देस्तेरो आनी खारीवाड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाच्या विस्थापनाची नोंद करुंक EIA अभ्यासात अपेस आयला.	ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना.
xii.	कोळश्याचे प्रदुशण: वास्को शार, मुरगांव, दाबोळी, चिखली, सांकवाळे, कुड्डाळी आनी दोना पावला मेरेन झुवारी न्हंयेचो उत्तरे कडलो किनारो हया आदीच गंभीर कोळसो प्रदुशणाचो त्रास सोसता आनी हे सत GSPCB न जारी केल्ल्या जायत्या कारणां दाखय नोटीस आनी काम थांबय आदेशावेल्यान मान्य जाता. जायत्यो नोटीसी आनी आदेश जारी करुनय MPT, अदानी, SWPL हांका प्रदूशण आडावप जमले ना. कोळसो आयातीतली प्रस्तावीत वाड हया सगल्या अती प्रदुशीत वाठारा खातीर भलायकी आनी पर्यावरणीय आपत्ती थारतलो. थळाव्या लोकसंख्येच्या भलायकेचेर आनी पर्यावरणाचेर जावपी परिणाम खबर आसूनय अशे तरेच्या अती प्रदूशीत वाठारात, कोळसो हाताळणी वाडुंक जायना. सद्याच्या कोळसो हाताळणी सुविधांतल्यान जावपी वायु प्रदुशण आडावपाक कितल्याश्याच तेंपाचे अपेस आनी नाईलाजाचे सत PP न मुद्दाम जावन लिपयला. ईआयए अभ्यासात GSPCB न जारी केल्ल्यो नोटीसो, राहिवाश्यांनी कितलोसोच तेंप सोशील्ले धुल्लाचे प्रदूशण आनी हयो गंभीर समस्या सुटाव्यो करपाक PP क आयिल्ले अपेस हयो गोश्टी मतीत घेवपाक	GSPCB न दिल्ल्या आदेशांचे योग्य आनी बेगोबेग पालन केल्ले आनी योग्य प्रक्रीयेक पाळो दिवन प्रकरणीचे निराकरण केल्ले. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. क्षमताय वाड पांवड्यार, योग्य APCMs स्थापीत करुन आमी उत्सर्जन मानकांक पाळो दीतले. प्रस्तावीत उत्सर्जन नियंत्रण उपाय प्रकरण 4, परिणामांचे मुल्यांकन आनी शमन उपाय, विभाग 4.3.4, पान क्र. 4.14 चेर दिल्यात. प्रस्तावीत क्षमताय वाडीक लागुन वायु पर्यावरणाचेर उल्लेखनीय परिणाम जावपाची शक्यताय ना.

	पुरायपणान अपेस आयला.	
xiii.	रेल्वेक लागून लोकांचे विस्थापन; • कोळश्याच्या प्रस्तावीत आयातीच्या येरादारी खातीरच सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण प्रस्तावीत आसा. • सद्याचो रेल्वे रुळ गोंयातल्या उच्च लोकसंख्या आशिल्ल्या गांवातल्यान वता आनी थळाव्या समुदायाचे व्हडा प्रमाणात विस्थापन करुन रुळाचे दुपदरीकरण शक्य ना. • रेल्वे रुळा लागसरच्या थळाव्या लोकसंख्येवेलो भलायकी आनी आवाजाच्या प्रदुशणाचो परिणाम व्हडा प्रमाणात वाडतलो. • रेल्वे रुळा लागसरच्या शाश्वत अर्थवेवस्थेची हानी आनी पर्यावरणाचो विध्वंस तीतलोच भयानक आसतलो. • रेल्वे रुळाच्या दुपदरीकरणाक लागुन अस्तंत घाटाचो (WGs) विध्वंस आनी विखंडन (WGs) हे WG तले वन्य जीवन आनी खासा करुन उत्तर गोंयातल्या वाठारा खातीर भंय आसा.	रेल्वे वरवी म्हालाचे स्थलांतर ही चालू आशिल्ली प्रक्रीया. क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण हाताळपाच्या प्रस्तावीत अतिरीक्त म्हालाक आस्पावन घेवपाक भारतीय रेल्वे वरवी, रेल्वे रुळाच्या विस्ताराची गरज ना, कारण सद्याची रेल्वे साधनसुवीधा अतिरीक्त म्हाल हाताळपाक फावो तीतली आसा
xiv.	NH17B आनी NH 4A लागुन लोकांचे विस्थापन; • NH 17B आनी NH4A च्या वेगवेगळ्या विभागात सद्या चालु आशिल्ले काम हे फक्त अतिरीक्त कोळश्याच्या आयाती खातीर आसा, जें जनते कडल्यान लिपयला. • ही कामां पर्यावरणीय संवेदनशील, CRZ वाठार, मुखेल कृशी जमीन, जल भरणा आनी थळाव्या समुदायाचो विध्वंस करतली. • NH 4A च्या विभागाचो विस्तार, महावीर राष्ट्रीय उद्यान/WLS कडेन WGs दुभाजीत करता हो हया कामांचोच भाग आसा. ही रानां आनी व्हडल्या देंवणशे मदल्यान रस्त्यांचो विस्तार पर्यावरणीय आपत्ती थारतली. • प्रकल्पाच्या परिणामाचीं चूकीची म्हायती दिवच्या खातीर प्रस्तावीत कोळसो आयातींतल्या वाडी खातीरच्या रस्तो विस्ताराची म्हायती जाणून बुजून लिपयल्या.	सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जावची ना. हया आधुनीकीकरणाच्या प्रस्तावाक लागुन SWPL न खंयच्याय रस्तो विस्ताराचो प्रस्ताव दवरुंक ना.
xv.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना: • PP न हया आदीच ड्रेजींगाच्या कामांचो कांय भाग पुराय केला, देस्तेरो, बायणा आनी खारीवाड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाचे विस्थापन, बायणा किना-यावेल्या रेंवेच्या ढिगा-यांचो विध्वंस आनी MPT गेट 9 वेल्यान NH 17B खातीर उड्डाण पुलाच्या बांधकामा खातीर (जें NH4A क बेळगांवा जोडता) झीज प्रवण देस्तेरो दोंगुल्ली भरप, NH 17B च्या मीसींग लींका खातीर लोटलींतल्यो खाजन जमनी भरप आनी खांडेपारा NH4A च्या विभागात दोंगुल्लेची कापणी आनी झाडां तोडप आदी. ही सगली कामां कोळसो विस्तारा खातीर आसात आनी काम सुरु करच्या आदी हाचो अभ्यास करुंक जाय आशिल्लो. • राज्य सरकार, MPT आनी केंद्र सरकारान मुद्दाम हे सत लोकांकडल्यान लिपयला आनी ईओए अधिसुचोवणे खाला दिल्ल्या प्रमाण पुराय प्रकल्पा खातीर ईआयए अभ्यास करीनास्तना हे काम फुडे	उपकार करुन 85(vii), आनी 85(i.a) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

	व्हेला. • ईआयए अधिसुचवणे खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना म्हणुन, हो प्रस्ताव न्हयकारुंक जाय आनी जमीन आनी न्हंयांचो तळ परत आशिल्लो तसो करुंक जाय	
xvi.	हवामान बदल, ग्लॉबल वॉर्मींग: • भारताची संसारीक समुदाया कडेन बांधीलकी, जी ताच्या INDC त घोशीत केल्ली, त्या प्रमाण जीवाश्म इंधनाच्या वापरात 2030 मेरेन 40% उणाव हाडुंक जाय. कोळसो साधनसुविधेत वाड ही भारताच्या जीवाश्म इंधन उणो करपाच्या बांधीलकेत फुडे वचपी वाट न्हय. • NASA आनी हेर संशोधनात्मक संस्थांच्या संकेतस्थळार प्रदर्शीत केलां त्या प्रमाण संसारीक सरासरी तापमान वाडीचो दर भयानक आसा आनी आमी बेगोबेग काळसो साधनसुविधा उणी करपाक जांय. कोळश्याच्या वापराच्या वाडी खातीर हो आसा, मात हवामान बदल वा ग्लॉबल वॉर्मींगा वीशी ईआयए अहवालात उल्लेख ना, हांतुतल्या अशे दिसुन येता की प्रकल्पाचे अती महत्वाचे पैलू मुद्दाम लिपयल्यात.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो बंदर टर्मीनलाचेर कोळसो हाताळणी खातीर आसा. आधुनीकीकरण आनी सद्याच्या क्षमतायेचो बरो वापर करच्या खातीर प्रस्तावीत ब-या कार्यक्षमतायेचो परिणाम म्हळ्यार क्षमतायेत वाड. संसारीक हवामान बदल मुद्दयाचेर उपाय करप हे ईआयए व्याप्तीच्या भायर आसा.
xvii.	एकठाय परिणाम मतीत घेवपाक अपेस: • झुवारी न्हय आनी तीचे मुख, मुरगांव आनी सांकवाळे खाडीतले आनी चिखलीतले किनारी उदक प्रदुशणाक लागुन आनी मनश्याचो वावर जशे की मायनींग, बंदरावेलो वावर, जहाज आनी बार्जींची बांधणी आनी दुरुस्ती, लोकवस्ती, शारीकरण, पर्यटन आनी उद्देग हाका लागुन परिणाम जाला. ईआयए अहवालात हया वावराचो आनी तांच्या एकठाय परिणामाचो कसलोच उल्लेख ना.. • ईआयए अभ्यासात हया वाठाराच्या किना-याची व्हडा प्रमाणातली झीज मतीत घेतली ना. सल्लागारांच्या मर्यादीत दृश्टीकोनाक लागुन चुकील्ले कांय महत्वाचे मुद्दे आसात; a. मायनींगाची परतुन सुरवात - माननीय उच्च न्यायालयान गोंयात नव्यान लोह खनीजाच्या खणकामाक परवानगी दिल्या. व्हडा प्रमाणांत खणकाम सुरु जाल्ल्यान समुद्र आनी न्हंयाचे व्हडा प्रमाणात प्रदुशण जातले आनी नुस्तेमारी, सागरी जिवीत आनी मार बशिल्ले नुस्तेकार हांचेर व्हडा प्रमाणात परिणाम जातलो. b. पर्यटन- पर्याटन हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेचो कणो आसा आनी हरीत आनी नितळ प्रतीमेक लागुन पर्यटक भेट दितात. कोळसो हाताळणीक वाड केल्यार डॉल्फींन्स पळोवप, कोरल रीफ डायवींग आदी, तशेच दर्या दैंगो, वास्को शार आनी विमानतळ वाठाराचेर जाल्ल्या परिणामांक लागुनय गोंयच्या पर्यटन संकल्पनेत भरपुर उणाव येतलो c. नुस्तेमारी- मानवनिर्मीत वावराक लागुन गोंयची नुस्तेमारी नुस्त्याच्या साठ्याच्या उणावाची खर हानी सोसता. ते उणावाच्या गंभीर पांवड्यार पावला. ईआयए अहवालात गोंयची नुस्तेमारीची भलायकी मतीत घेना. d. किनारी झीज - गोंयच्यो रेंवाळ दर्यादेगो खर झीज सोसतात आनी ताचो दस्ताऐवज तयार केला.	EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. आधारभूत पर्यावरणीय देखरेख MPT वाठारातल्या हेर सद्याच्या उद्देग /ऑपरेशन्सातल्यान जावपी प्रदूशण मतीत घेता. मापदंड ची देखरेख सुवातों अशे तरेन वेंचल्यात की ते वाठारातल्या वेगवेगळ्या स्त्रोतांकडल्यान जावपी प्रदूशणय दाखोवन दीता. वेगवेगळ्या पर्यावरणीय मापदंड च्या नमुनो सुवातांचो तपशील पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, प्रकरण 3 हांगा दिला. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. निरीक्षण समा ना. प्रकल्प वाठाराचो किनारी रेशा दर्जो प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.14, पान क्र. 3-16 दिलां. a. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. b. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. c. ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, कोश्टक 3.14, पान क्र. 3-75 हांगा दिल्ले म्हायतीत 2011ते 2015 काळांत सागरी नुस्ते उत्पादनात वाड जाल्ल्याचें दाखयता. (स्त्रोत- नुस्तेमारी संचालनालय, गोंय सरकार).

	ड्रेजींग आनी व्हडा प्रमाणातलो वावर आनी जहाजांचो आकार झीज आनीक वाडयतले आनी अभ्यासात हे सत मतीत घेतले ना. e. रियल इस्टेट आनी शारीकरण - शारीकरण आनी रियल इस्टेटीक लागुन न्हंयो, समुद्र आनी जमनी सयत अभ्यास क्षेत्रात गंभीर परिणाम जाल्यात, जाका लागुनसागरी आनी जमनीच्या पर्यावरणाचेर तशेच अर्थवेवस्था आनी गोंयच्या समाजाचेर खर प्रदूशण, झीज, गाळ साचप आनी हेर न्हयकारी परिणाम जातात. ईआयए अहवालात हया परिणामांचो संदर्भ ना. f. गोंयची वहन क्षमताय - गोंयची ल्हान जमीन आनी उदका मार्ग पारंपारीक रितीन वापरतात आनी ताका लागुन शाश्वत अर्थीक आनी सामाजिक उदरगत जाल्या. आयज तीच जमीन आनी उदक खाजगी लावाखातीर जशे की जशे की अदानी आनी JSW, 5 तारांकीत हॉटेलां, क्रुज जहाज पर्याटन, क्सीनो, मरीना, उद्देगीक वाड, शीक्षणीक आनी वैजकीय संस्था, रीयल इस्टेट, मायनींग आनी साधनसुवीधा प्रकल्पां हांच्या खातीर वळयला, जाका लागुन गंभीर संघर्श जाल्यात. हे आवश्यक आसा की, गोंयचो सद्याचो अर्थीक वावर आनी तांचो एकठाय परिणाम मतीत घेवन राज्याची वहन क्षमताय आदी पळोवची.	d. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. e. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. f. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना.
xviii.	अपुरो आनी उथळ ईआयए अभ्यास: प्रकल्पा खातीर केल्लो ईआयए अभ्यास सकयल दिला त्या प्रमाण पुरायपणान दोशपुर्ण, अपुरो आनी ईआयए अधिसूचोवणेचे पुर्ण उल्लंघन करता; a. फॉर्म I त सत पुरायपणान लिपयला: • फॉर्म I ची प्रत उपलब्ध ना. PP न फटीचे फॉर्म I सादर केला. प्रकल्पात बंदर आनी प्रवेश कालव्याचे ड्रेजींग, कोळसो हाताळणीत वाड आनी ताचो परिणाम म्हण प्रदूशण, सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण आनी NH 17B आनी 4A चे बेळगाव मेरेन चार पदरीकरण हे सत तांतुत लिपयील्ल्यान ते अपुरे आसा. • अभ्यास क्षेत्रातल्या असंख्य अनुसुचीत I प्रजाती आनी प्रवाळी आनी गोंयच्या पारंपारीक नुस्तेमारी खाडीचे सामाजिक-अर्थीक महत्व फॉर्म I त सुचीत करुंक जाय आशिल्ले. b. तीनूय अभ्यास वयले वयले आसात आनी अहवालात डेटा कॉपी पेस्ट केला.: तीनय अभ्यास एकाच वेळार एकच सल्लागार WAPCOS हांणी केलां. तीनय अभ्यासात पुराय वळख आनी कांय भाग कॉपी पेस्ट केला. ईआयए अभ्यासात अभ्यास क्षेत्राच्या सामाजिक -अर्थीक आनी पर्यावरणीय वास्तवाकडेन आडनदर केल्या. c. अपुरो आनी अपुर्ण ToR: ToR लेगीत उपलब्ध ना, मात सहाजीकच तो पुरायपणान अपुरो आसा कारण न्हंयाचे ड्रेजींग, येरादारी साधनमुविधा, वाडिल्ले कोळसो हाताळणी ऑपरेशन्स आनी ताचो परिणाम म्हण लोक आनी पर्यावरणाचेर पडपी प्रभाव हे प्रकल्पाचे भाग मतीत घेवपाचे निर्देश सल्लागाराक दिंवक ना. कोरल रीफ, अनुसूची I तल्यो प्रजाती आनी नुस्तेमार समुदायाचो उल्लेख	निरीक्षण समा ना. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. a. भोवशीक सल्लोमसलती खातीर प्रसारीत केल्ल्या ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो फॉर्म I भाग आशिल्लो. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले. फॉर्म 1 हे ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) प्रमाण ईआयए पूर्व सादरीकरण.

	करपाक आयिल्ले अपेस हाका लागुन ToR अदीक असंबद्ध आनी अपुरो जाता. d. साहित्याक अभ्यास आनी दुय्यम डेटाचो संदर्भ घेवपाक आयिल्ले अपेस: ईआयए सल्लागारांक भोवशीक क्षेत्रात उपलब्ध आशिल्ले दस्ताऐवज आनी WWF, NIO आदींनी अभ्यास क्षेत्रातल्या समृद्ध वनस्पत आनी प्राणी जैववीवीधतायेचेर (डॉल्फीन्स, व्हेल, समृद्ध कोरल रीफ आनी अनुसूची I तली स्थळाच्या मूळाची वनस्पत आनी प्राणी) केल्ल्या अभ्यासाचो संदर्भ घेवपाक अपेस आयला. अभ्यास क्षेत्रातली व्हडा प्रमाणातली पारंपारीक नुस्तेमारी आनी समृद्ध नुस्तेमारी आनी तांचे अर्थीक महत्व. वास्कोतल्या थळाव्यांक तोंड दिवचे पडता ती जुनाट कोळसो प्रदुशणाची समस्या आनी GSPCB कडल्यान जायत्यो नोटीशी मेळुनय हयो समस्या सुटाव्यो करपाक कंपनीक आयिल्ले अपेस. e. मुळावो अभ्यास करुंक आयिल्ले अपेस: अभ्यास क्षेत्राच्या 10 किमी परिघातल्या पर्यावरणीय आनी सामाजीक अर्थीक विशयाचेर कसलोच मुळावो अभ्यास करुंक ईआयए सल्लागारांक अपेस आयला. कोळसो प्रदुशणाचो मुद्दो अधोरेखीत केल्ल्यान रहीवाश्यांक तोंड दिवचे पडतात त्या वायु प्रदुशणा कडेन संबंधीत भलायकेच्या मुद्द्याचेर प्रस्तावकान तपशीलवार अभ्यास करपाची गरज आसा. f. पुरायपणान चूकीचो आधारभूत डेटा: अर्थपूर्ण आधारभूत डेटा नाशिल्ल्यान ईआयए अभ्यास फटीचो आनी असंबद्ध जाता. देखीक, अभ्यास क्षेत्रात डॉल्फीन, व्हेल, कोरल रीफ, नर्सरी आदी ना अशे म्हणून, अभ्यास क्षेत्राच्या जैवविवीधताये कडेन ईआयए अभ्यासात पुरायपणान आडनदर केल्या. अभ्यास क्षेत्रात रावपी नुस्तेमार आनी तांचेर निंबून आशिल्ल्यांचो आकडो जो दिला ताचे परस खुप अदीक आसा. ड्रेजींग आनी कोळसो हाताळणीक लागुन जावपी नुस्तेमा-यांच्या अर्थीक आनी सामाजीक विस्थापनाचे प्रमाण दिवपाचो यत्न करुंक ना. g. ईआयए अहवालात निराधार वक्तव्यां: ईआयए अहवालात संदर्भ दीयनास्तना वक्तव्यां केल्यात. h. गंभीर विध्वंसक परिणाम मुद्दाम लीपयल्यात: सल्लागारान अभ्यास क्षेत्राच्या पर्यावरणीय, अर्थीक आनी सामाजाचे प्रत्यक्ष स्वरुप फटींग दिला आनी लिपयला. पर्यावरण आनी सामाजिक -अर्थवेवस्थेचेर परिणाम खुप कमी जातलो अशे फटींग चित्र निर्माण करच्या खातीर आधारभूत डेटात फटींगपणा करप. i. अपुरे तज्ञ आनी अभ्यास: कोळसो आयातीतली वाड, रेंव न्हयेचे ड्रेजींग हाका लागुन लाखांनी रहीवाश्यांचेर गंभीर परिणाम जातले, कारण ताच्या परिणामांचो हया आदीच अणभव घेतला. मात, सद्याच्यो भलायकेच्यो समस्या आनी ताची संभाव्य वाड हाचेर अभ्यास करुंक ना. ड्रेजींग, जहाजांचो वाडील्लो आकडो आनी आकार आनी कोळसो हाताळणीचो सागरी जिवीत, जैवविवीधताय, नुस्तेमारी आनी नुस्तेकारांची उपजिवीका हांचेर परिणाम हया वीशी योग्य अभ्यास करुंक ना. j. सुधारणा मतीत घेंवक ना: ईआयए अहवालात पॅरा 3.7 त म्हळां, "आवश्यक बॅकअप वाठाराची गरज पुराय करुंक हॅडलॅड देंवती आनी प्रवेश कालव्या मदल्या जमनीची सुधारणा करुंक जाय." मात, ही	पर्यावरणीय घटकांचो तपशील ईआयए अभ्या उपरांत सादर करुंक शकतात. b. आमचो प्रकल्प हो MPT न प्रस्तावीत केल्ल्या हेर दोन प्रकल्पांच्या परिणाम वाठाराचो भाग आसा (जशे की, 1. कॅपीटल ड्रेजींग आनी 2. धक्को 8 आनी 9 आनी बार्ज धक्क्याची सुधारणा), हे खुप तर्कशुद्ध आसा की ईआयए अहवालातले कांय घटक समान आसतले. M/s WAPCOS लि., भारत सरकार हांका ईआयए अधुसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) वा हेर खंयचेय परिपत्रक/ OMs /नोटीसी वा MoEFCC ची हेर कळोवणी वा हेर खंयच्याय वैधनीक मंडळाच्या चौकटे खाला खंयचेय सुवातेर प्रकल्प घेवपाक निर्बंध ना. ToR हो भोवशीक सल्लोमसलती खातीर फीरयील्ल्या ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो वाटो आशिल्लो. न्हंयांचे ड्रेजींग हे अधुनीकीकरणाचो भाग ना. c. वेगवेगळ्या सरकारी संघटनां कडल्यान प्रकल्प वाठारा खातीर संबंधीत साहित्यीक सर्वेक्षण आनी दुय्यम डेटा एकठाय करपाचो वावर केला आनी ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात नोंद केला. q. मुळावो आधारभूत अभ्यास सरभोवतणची हवा, आवाज, उदक (भूजल, पृश्ठभाग - समुद्री उदका सयत), माती (सागरी गाळा सयत), सागरी आनी जमनीच्या पर्यावरणीय आनी जैवीक मापदंड, खातीर केला आनी ताचे तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात दिल्यात. प्रकल्पाच्या वाठाराची जवसंख्यांकी रुपरेशा जनगणना अहवाल, 2011 चेर आधारीत आसा. हया प्रकरणात दिल्ली म्हायती मुखेलपणान मुळावो जनगणना गोशावरा 2011 तल्यान घेतल्या. सामाजिक -अर्थीक अभ्यासा खातीर मुळावो आधारभूत डेटा एकठाय करुंक ना कारण प्रस्तावीत प्रकल्पाचो थळाव्या रहिवाशींचेर कसलोच प्रत्यक्ष आनी उल्लेखनीय न्हयकारी परिणाम जायना, कारण क्षमताय वाड प्रकल्पात भुंय संपादनाचो प्रस्ताव ना. आमच्या क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. d. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्द्याक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. e. साबार दुय्यम डेटा स्त्रोतांचेर आधारुन ईआयए तयार केला, जांका ईआयए अहवालाच्या

	म्हायती फॉर्म I त दिसुंक ना आनी अहवालात मतीत घेंवक ना. k. तयार केल्ले परिक्षण परिणाम: 3.10 त वायु परिक्षण निकाल पुरायपणान तयार केल्ले आसात, जे नोंद केल्ल्या उण्या रीडींगा वेल्यान दिसता, जे समस्ये बगरच्या शारातय अशक्य आसात. सगल्यो PM10 नोंदी फटीच्यो आसात आनी वारकोत प्रदुशण ना हे दाखोवपाचो यत्न करतात. l. मनमानीपणान हेत सांगला, विचारात लेगीत घेवुंक ना: EMP कडेन संबंधीत प्रकरण 5.1 त म्हळां "ईआयए अभ्यासात EMP चे महत्व म्हळ्यार पर्यावरणावेलो ताण/भार हो वहन क्षमताये भीतर आशिल्ल्याची खात्री करप. मात पर्यावरणाची वाहन क्षमताय आनी पर्यावरणावेलो ताण हाचे प्रमाण दिवक ना. m. पर्याय: प्रस्तावीत प्रकल्पाक खंयचोय पर्याय विचारात घेवपाचो यत्न सल्लागारांनी करुंक ना. पर्यावरणीय आनी सामाजिक-अर्थीक विद्वंस मतीत घेयनास्तना गोंया वरवी कोळसो आयात वाडोवपाचो पयलीच विचार केल्लो निर्णय हांतुत दिसता. आयात केल्ल्या कोळश्या परस देशी कोळसो वापरपाचो विचार मतीत घेवपाक अपेस. n. खर्च आड लाव: खर्च आड लाव हाचेर अभ्यास करुंक ना. आधारभूत डेटा वा खर्च आनी प्रकल्पाचे लाव हांचे प्रमाण थारावपाचो यत्न करुंक ना.	वेगवेगळ्या प्रकरणात योग्य श्रेय दिलां. f. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्दयाक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. g. आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना. h. समुद्री वाठाराचो विस्तार हो आधुनीकीकरण प्रकल्पाचो भाग ना, म्हणुन समुद्रात सुधारणा हया प्रकल्पाचो भाग ना. i. निरीक्षण समा ना. j. प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5., पान क्र. 5-1 त केल्ले वक्तव्य हे प्रकल्प वावराकडले न्हयकारी परिणाम ताब्यात दवरपा खातीर /सुधारपा खातीर योग्य आनी अनुरुप EMPs घालुन दिवपाच्या आधाराच्या संदर्भात केल्ले. सद्याचे ऑपरेशन्स वा प्रस्तावीत क्षमताय वाडीच्या बाबतीत खंयचेय पर्यावरणीय मापदंड तांच्या वहन क्षमताये मेरेन पाविल्ल्याचे ईआयए अहवालात दाखयना. k. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्या. टर्मीनल सुवीधेचे हे आधुनीकीकरण. म्हणुन पर्यायांचो अभ्यास करपाची गरज ना. l. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 (दुरुस्त), परिशिश्ट III, Sr. 9 प्रमाण MoEFCC न जारी केल्याधि अतिरीक्त ToR चो भाग म्हण आस्पावीत केल्यारुच खर्चाच्याचो लावाचे मुल्यांकन करप गरजेचे आसा.
xix.	स्थीरताय आनी जतनायेची तत्वां मतीत घेंवक ना: ईआयएत खंयच 'स्थीरताय' वा जतनायेचे तत्व' हे शब्द नमुद करुंक ना. आमी ईआयए अभ्यास न्हयकारतात, कारण तो पुरायपणान फटीचे आनी ईआयए अधिसुचोवणेचे उल्लंघन करतात. आमी हया प्रकल्पाक विरोध करतात कारण तो गोंयचे नुस्तेमार, वास्को द गामा, मुरगावचे रहिवाशी आनी मार बशील्ले हेर नागरीक, गोंयच्या हेर वाठारातले रहिवाशी आनी गोंयांतल्या समुद्री आनी न्हंयातल्या सागरी जीवीताच्या हीताच्या आड आसाच, सांगात राष्ट्रीय आनी संसारीक हिताच्या आड आसा	प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिवक ना.
93. अविनाश तावारीस, फातोर्डा, मडगांव		
i.	अपु-यो परिक्षण सुवातों	प्रकल्पाची सुवात सडा हेडलँडाच्या उत्तरेवटेन तोंडार खाशेले सुवातेर आनी समुद्रान वेडिल्ली (उत्तर

	ईआयए अहवाल दोशपुर्ण आसा कारण, फक्त 4 किमी परस उण्या ल्हान वाठारात अभ्यास केला आनी पुराय 10 किमी वाठारात न्हय.	आनी दक्षीणेक). वायु प्रदुशणाचे संभाव्य स्रोत हे बंदराच्या टर्मीनल वावरा कडल्यान, क्षणीक तयार जावपी कण आसा, जे सुवातेर अंमलबजावणी केल्ल्या प्रदुशण उपायान व्हडा प्रमाणात नियंत्रीत जाता. फुडे, हे खुप उणे उत्सर्जन, आसले जाल्यार, सामान्य हवामान परिस्थीतीत व्हडा अंतराचेर वचपाची शक्यताय ना. त्याप्रमाण, उण्या तीव्रतायेचे प्रदूशण, आसले जाल्यार, हवा प्रदुशण फाफसोवच्या आदी धरपाक AAQ आधारभूत स्थानकां, 5 किमी परिघा भीतर वा प्रकल्प सुवातेच्या लागसर स्थीत आसात.
ii.	सरभोवतणच्या हवेचो दर्जो गरमेच्या दिसांनी मेजला आनी वा-याची म्हायती ना: गरमेच्या म्हयन्यांत हवा विखारी उत्सर्जना वांगडा वयर वता. उत्सर्जनाची मेजणी करपाचो सारखो वेळ म्हळ्यार शींयाचे दिस जेन्ना किमान वा-या वांगडा थंड हवा जमनीच्या पातळीत आसता. धुके आनी हवेतल्या प्रदुशणाक लागुन हया वेळार लोक दुर्यंत जातात, वा-याच्या दिशेचो अभ्यास मुद्दाम करुंक ना आनी तो ईआयए अहवालात ना. WAPCOS हांणी मुद्दाम हे म्हयने वेंचल्यात आनी शक्य तीतल्यो उण्यो नोंदी एकठाय करच्या खातीर वा-याच्या नमुन्याचेर अभ्यास करुंक ना.	ईआयए अभ्यास पर्यावरण, रानां आनी हवामान बदल मंत्रालयान (MoEFCC) जारी केल्ल्या ToR प्रमाण केला.
iii.	दिशाभूल करपी सरभोवतणची मार्गदर्शक तत्वां: (ईआयए अहवालाचे कोश्ठक 3.1) सरासरी नोंदीची तुळा भारतीय मानकाच्या दिसपट्टया मर्यादे कडेन केल्या आनी सरभोवतणच्या हवेच्या भारतीय मानकाच्या वर्सुकी सरासरी कडेन करुंक ना. कोश्टक 3.1 तल्या कण आनी NO2 च्या नोंदी प्रमाण ते वर्सुकी सरासरी सरभोवतणच्या हवा दर्ज्या परस अदीक आसात. हाचे वेल्यान दिसुन येता की WAPCOS न 24 वरांच्या मान्यताय प्राप्त मर्यादे कडेन तुळा करुन डेटाचो चुकीचो अर्थ लावपाचो यत्न केला.	अभ्यास तीन म्हयन्याच्या काळा खातीर आशील्लो, म्हणुन NAAQS वर्सुकी मीन वांगडा तुळा करुंक ना, जे मानक प्रथे प्रमाण आसा.
iv.	WAPCOS दावो करता की उच्च आर्द्रता आशिल्ल्या कोळश्याची आयात केल्ल्यान धुल्लाचे प्रदुशण उणे आसतले. हे फट आसा कारण, ते सवाय आशिल्लो तो उच्च राख आनी उण्या आर्द्रतेचो कोळश्याचो कच्चो म्हाल हाडतात (ईआयए अहवालाचे पान 4.16 आनी 5.6) अश्या प्रकराच्या कोळश्याच्या हाताळणीक लागुन धुल्लाचे प्रदुशण जाता.	वक्तव्य चुकीच्या पद्धतीन सांगला. ईआयए अहवालात केल्ल्या वक्तव्या वांगडा आमी आसात.
v.	प्रस्तावीत प्रकल्पाचो जल पर्यावरणावेलो परिणाम ईआयए अभ्यासात नमुद करुंक ना. देखीक, ईआयए अहवालातले शीश्याचे प्रमाण दाखयता की बंदरातले उदक समुद्रातल्या उदकाच्या पातळी परस 260% उच्च आसा. उदकातल्या अवजड धातु दूशीतकरणाचो सुरक्षीत मापदंड अहवालात दिंवक ना.	अहवालात उदका पर्यावरण मतीत घेतला आनी MoEF न जारी केल्ल्या ToR त दिल्ल्या मापदंडा प्रमाण आसा. SWPL चे उदका वटेनच्या वावराचेर आनी अवजड धातूंचेर, नियंत्रणात नाशिल्ल्यान, ते आसले जाल्यार बंदर सुरु जाल्ल्या काळा सावन हाताळील्ल्या सगल्या म्हालाचे एकठाय आसतले, हाची जाप दिवपाचे स्थीतीत SWPL आसचे ना.
vi.	मातयेचे परिक्षण फक्त बंदराच्या वाठारा भोवतणी केलां आनी 10 किमी परिघाच्या प्रभावीत वाठारात करुंक ना. पारो आनी आर्सेनीक सारख्या अवजड धातुंच्या हाजेरे खातीर मातयेचे परिक्षण करुंक ना.	प्रस्तावीत प्रकल्पातल्या वावराचे स्वरुप सद्याच्या चालू प्रक्रिये सारखे आसा, आनी हाताळणीच्या कार्यक्षमतायेच्या वाडी बगर वावरात हेर कसलोच बदल प्रस्तावीत ना, जाचो परिणाम म्हण वर्सुकी उलाढालीत वाड जातली. म्हणुन, प्रक्रियेत बदल नाशिल्ल्यान, हाचो वाठाराच्या मातयेचेर कलसोच परिणाम जावपाची शक्यताय ना. मातयेच्या दर्ज्याची आदारभूत रेशा स्थापीत करच्या खातीर मातयेचे परिक्षण केला.
vii.	a. प्रस्तावीत प्रकल्प कार्यान्वीत जाल्या उपरांत तयार जावपी कोळश्याच्या धुल्लाच्या परिणामाचे	उपकार करुन 1(iii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात

	मुल्यमापन करुंक ना.	
	b. अकार्यक्षम उदकाची फवारणी P10 आनी P2.5 कणांचे नियंत्रण करतात.	क्षणीक उत्सर्जन उणे करच्या खातीर आधुनीक उपकरणांचो वापर करुन उदकाची फवारणी करतात.
	c. 10 मायक्रोन (PM10) परस उणे धाकले कण साबार दिस मेरेन हवेत रावपाक शकतात आनी वा-याक लागुन सरभोवतणी वा मुळ स्रोता कडल्यान पयसुल्ल्या अंतरा मेरेन फाफसोवपाक शकतात. बारीक कण (<2.5 मायक्रोन) वातावरणात कायम रावपाक शकतात. 5-10 किमी मजगती सेन्सर नाशिल्ल्यान आनी परिक्षणाचो काळ उणो आशिल्ल्यान, धुल्ल खुप अंतरामेरेन वचपाक शकना हाची खात्री दिवपाक ईआयए अहवालात अपेस आयला.	सरभोवतणच्या हवा दर्ज्याचे विश्लेशण NAAQS, 2009 च्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण केला.
viii.	ईआयए अहवाल म्हणता की स्थायीक टाकये कडल्यान तयार जाल्लो गाळ, जाका इंधनाचे मोल आसा, तो गांवका-या मदी वितरीत करुंक जाता. तो अशेय म्हणता की हो गाळ खुप धोकादायक आसा कारण तो आम्लधर्मी, विखारी आनी अवजण धातूंन भरिल्लो आसा. गाळाचे इंधन म्हणुन ज्वलन गावक-यांक आनी खासा करुन भुरग्यां खातीर खुप धोकादायक आसा. हातुतल्यान कोळश्याचो कोयर हाताळपाचो MPT चो निश्काळजी दृश्टीकोन दिसुन येता. कोळसो स्थायीक जावपाची टक्केवारी लेगीत प्रकल्प प्रस्तावकांन करुंक ना.	कोळश्याचेर फवारणी केल्ले उदक चडशे कोळश्यात शोशून घेतात आनी व्हांवप जवळजवळ ना. कोळश्याचे साठे सेगीत धापुन दवरतात; पावसाचे उदक कोळश्याच्या साठ्याच्या संपर्कात येना. हाका लागुन, व्हांवपी उदकाचे प्रमाण खुप उणे आसा. केन्ना केन्ना व्हांवपी उदक डंप तळ्यात व्हांवता जंय कोळश्याचे कण बसतात. तयार जाल्लो गाळ नेमान नितळ करतात आनी नेमाप्रमाण ताचे विलो लायतात. आमच्या सुवीधेत लगद्याच्या कुडक्यांचे वितरण करुंक ना. खंयच्या प्रकरणात ईआयएत फक्त दिल्ल्या सल्ल्याची नोंद करता आनी सक्तीच्या अंमलबजावणी खातीर न्हंय.
ix.	ऑस्ट्रेलीयेतल्या अबोट्ट पॉयंट कोळसो बंदराचेर हालीच जाल्ल्या आपत्ती सारखो जर उटंगराचो पावस पडलो जाल्यार आपत्ती वेवस्थापन आराखडो.	मान्सून काळा सयत म्हाल पुरायपणान वॉटरप्रुफ धांपण्या खाला आसता. साठयिल्ले परिस्थीतीत पावसाचे उदक म्हालाच्या संपर्कात येवपाची शक्यताय ना. म्हणून, म्हालातल्यान व्हंवपी म्हेळे उदक शक्य ना.
x.	आपत्ती वेवस्थापन आराखडो, जर बुडपी बोटी खातीर (जशे की मुंबय किना-या लागी बुडिल्ली अदानीची बोट) जाग्यार नासलो जाल्यार.	समुद्री उदकांतल्या वावराचे नियंत्रण MPT करता, कारण बंदराच्या संरक्षणाचो वावर तांच्या कडेन आसा. सुचालन, जहाजांची सुवात बदलप आनी हेर संबंधीत वावर SWPL च्या नियंत्रणात ना.
xi.	बंदराचेर वाडिल्ले ट्रक आनी ट्रेनींतल्यान जावपी वाडिल्ल्या उत्सर्जनाचो परिणाम ईआयएत मतीत घेंवक ना.	प्रकल्पात सद्या म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जायना आनी प्रस्तावीत आधुनीकीकरण पांवड्यारय ताचो प्रस्ताव ना. लोडींग वावरा उपरांत, पुराय पणान दोरखंडान बंद करुन, इन मोशन वॅगोन यंत्रणा वापरुन ट्रेनीच्या म्हालाचे डबे बेगोबेग आनी आपचलीतपणान धांपतात, हाका लागुन कसलोच म्हाल भायर सरपाची शक्यताय नासता. हो शून्य आडवाद आनी शून्य चूक वावर, जो प्रकल्प प्रस्तावक पुराय कडकपणान न करतात.
xii.	त्या भायर बंदराचेर स्थीर जल वेवस्थापन मार्गदर्शक तत्वां जाग्यार ना आनी ईआयए अहवालातल्यो सुचोवण्यो (बलास्ट केल्ल्या उदकाचे डंपींग करपाक मान्यताय दिवचे ना) मुरगाव बंदर नेम 1966 वांगडा परस्पर विरोधी आसात, जांतुत म्हळा की ब्लास्ट उदक फक्त अश्या धक्क्यांचेर सोडप जंय पालवी संरक्षक निर्देश दितलो तशेच प्रकल्प प्रस्तावकान उत्सर्जन नियंत्रण पातळी पुरायपणान समजायली नासल्यार.	बलास्ट उदकाची मार्गदर्शक तत्वां, MPT जहाजांक कळयता आनी आमका खबर आसा त्या प्रमाण तांका खरपणान पाळो दितात.
xiii.	वास्को खाडी पर्यावरण संवेदनशील आशिल्ल्या कारणान, जो मेरेन क्षेत्र हे उत्सर्जन नियंत्रण वाठार म्हण जाहीर जायना वा सल्फराची पातळी, SOx, NOx आदी नियंत्रीत करुंक ईसीए ना तो मेरेन MPT न	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.

	बंदराचो विस्तार करुंक जायना.	
xiv.	JSW वा MPT न अशे बरोवन दिंवक ना की ते फुडारात CSR वावराची अंमलबजावणी करतले.	PH वेळार उतर दिल्ल्या CSR ची हयकारीपणान अंमलबजावणी जातली.
xv.	नुस्तेमारी वावरावेलो परिणाम मतीत घेंवक ना, कारण MPT न आपल्या विश्वस्थ मंडळाच्या 24 व्या बसकेच्या कार्यवाहीत, 08/09/2010 तारखेच्या 4 थे बसकेत, पान 33 पॅरा 7.21 हांगा MPT च्या अध्यक्षान म्हळा की, खारीवाडा जेटी एक ते देड वर्स भेरेन काडुन वडयतले. तांणी अशेय म्हणील्ले की आस्त आसा की झुवारीत नुस्तेमारी जलमार्ग नासतलो.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
xvi.	आपत्ती वेवस्थापन आराखड्यात, अमोनीया/ नाफ्ता टाकयांक लागुन आशिल्ल्या धोक्याची परिस्थीती दाखयना.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
xvii.	हाका लागुन WAPCOS न केल्लो जलद ईआयए अपुरो आसा कारण प्रकल्प वर्सभर कार्यान्वीत आसतलो. हे स्पश्ट आसा की प्रकल्प खुप धोकादायक आनी पर्यावरणीय नदरेन अव्यवहार्य आसा आनी म्हणुन तो रद्द करुंक जाय.	WAPCOS हे NABET चे मान्यतायप्राप्त सल्लागार, जांका वेगवेगळ्या प्रकल्पांचो अणभव आसा. ईआयए जतनाय घेवन ToR च्या चौकटीत केलां. .
xviii.	WAPCOS न तयार केल्ल्या ईआयए अहवालात तांणी नदरेक हाडल्यात त्यो जायत्यो विसंगती आसात (लेखी सादरीकरण पळयात). हे सुचोवप चूकीचे थारचे ना की, अहवाल पीपी कडेन पक्षपाती आसा, तांतुत कांय गोश्टी वगळपाचे आनी कांय कृती केल्ल्याचें पातक आसा ज्या सगल्यांक लागुन WAPCOS आड दक्षता चवकशी करपाची गरज आसा.	योग्य आनी प्रकल्प विशीश्ट स्कोपींग, MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ले अतिरीक्त ToR, वाठाराच्या विशीश्ट ईआयए मार्गदर्शक पुस्तीका आनी MoEFCC न प्रकाशीत केल्ले वाठाराचे विशीश्ट मानक ToRs हांचेर आदारुन ईआयए तयार केला.
94. सेबी मास्कारेन्हस, वास्को, गोंय		
i.	मुरगाव बंदरावेल्या धक्को 5 आनी 6 चेर कोळसो हाताळणी थांबोवची म्हण आमी खर विरोध करतात. वास्कोचे नागरीक कोळश्याच्या धुल्लाच्यो भलायकेच्या धेक्याचो समस्या सोसतात. संबंधीत अधीकारणीक विनंती करता की रस्त्याची, कोळसो हाताळणी सुवातेची पळोवणी करची आनी बंदराच्या शेजारच्या वाठारातल्या दुर्येत लोकांचे सर्वेक्षण करचे.	प्रतीसाद दिंवक ना.
95. गांधी हेन्रीक्स, वास्को		
i.	ही भोवशीक सुनावणी 2 सप्टेंबर 2016 दिसा NGT न दिल्ल्या आदेश/निर्णयाक लागुन आसा.	निरीक्षण समा ना.
ii.	PP "मुरगाव पत्तन न्यास" "A" विभाग प्रकल्पा खातीर ईसी मेळयली मात भोवशीक सुनावणी घेवुंक नाशील्ल्यान ही मान्यताय रद्द केल्ली.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
iii.	निमाण्या पांवड्यार जेन्ना NGT मुखार केस चालु आशिल्ली, आदेशाच्या पान 31 चेर तांणी म्हळा, MPT न प्रकल्पाचे 60 % काम पुराय केलां.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.

iv.	आयज PH त तेच 3 भागात 3 दिसांत फुडे वता जो गंभीर मुद्दो आसा कारण प्रकल्प एक आसा आनी EC एका खातीरच घेतील्ली. a. NGT क आदेशाच्या तारखेच्या आदी म्हायती दिल्ली की प्रकल्पाचे 60% टक्के पुराय जाला, हाका लागुन हाव जाणुन घेवपाक सोदता, आयज 60 % कामातलो कीतलो टक्के पांवडो पुराय जाला. b. खर्च कीतलो जाला आनी जर प्रकल्प न्हयकारलो जाल्यार आदल्या स्थीतीत हाडपाक खर्च कितलो जातलो.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
v.	PP न पान 17 चेर धक्को 5 आनी 6 19.8 मी आनी धक्को 7 16.5 मी खोल करपाचो प्रस्ताव दवरला अशे दिसता. MPT न लोकांक सांगपाक जाय की धक्को क्र. 7 खोल करपाचे रद्द केला कांय हया आदीच केल्ल्या 60% कामात हया आदीच पुराय केला. 15 दशलक्ष cum ड्रेज म्हालातले पुराय जाल्ले प्रमाण आनी ते डंप केला ती सुवात हया वीशी लोकांक स्पश्टीकरण दिवप गरजेचे आसा.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
vi.	कॅपीटल ड्रेजींग हे बंदराच्या म्हाल हाताळणी क्षमताये परस वेगळे मानतले कांय कीते हया युक्तीवादात NGT क योग्यताय दिशील्ली. a. प्रकल्प मतीत घेतना धक्को 5 आनी 6 खातीर ब्रेकप कीते आसतले. b. धक्को 5 आनी 6 चेर कीतल्या प्रमाणात म्हाल उपशीयला. धक्को 5 आनी 6 चेर वाडिल्ल्या उदकाचे प्रमाण कितले आनी धक्को 5 आनी 6 चेर म्हाल हाताळणी क्षमताय कितली वाडल्या. c. क्षमताय वाडीक नाराजी उक्तायील्ल्यान जेन्ना लोकांचे मत विचारतात, तेन्ना वाडीखातीर खंयचो म्हाल हाताळतले हे दाखोवपाक जाय आशिल्ले. d. अशे दिसता तो कोळसो आसा. जर कोळसो आसा जाल्यार पुराय केल्ल्या 60% कामात, घुमटीच्या प्रकारची कोळसो हाताळणी बांधल्या कांय कीते. फाटली कितलीशीच वर्सा कोळश्याचो पावडर आनी कोळसो रस्त्यार पडिल्ल्यान आनी वा-या वांगडा व्हावन गेल्ल्यान गोंयच्या लोकांक खुप त्रास जाल्यात. कसलीय वाड आमचे पर्यावरण, नुस्तेमारांच्या उपजिवीकेचो विध्वंस करतली आनी गोंयच्या लोकांक नुस्ते मेळचे ना. e. कोळसो आनी लाकडाच्या तुकड्यांक लागुन वास्को शाराची खुप हानी जाल्या. म्हजे नमळायेचे सांगणे आसा की हो प्रकल्प गोंय राज्य आनी ताच्या लोकांच्या हिताचो ना. f. गोंयच्या हिता खातीर हो प्रकल्प न्हयकारुंक जाय.	ड्रेजींग आधुनीकीकरण प्रकल्पाचो वाटो ना. प्रस्तावीत प्रकल्प हो कॅपीटल ड्रेजींग प्रकल्पा सयत वा ड्रेजींगा बगर आसा, जाचो सद्याच्या उदरगतीचेर परिणाम जावचो ना आनी नींबुन ना.
96. वसुधा सावयकार, फोंडा, गोंय		

i.	USA तल्या JSW च्या उपकंपनीक तीन वेगवेगळ्या वेळार USA तल्या कायदो अधिकारणीन दंड घाला. डिसेंबर 2015 त, USA तल्या जिल्लो न्यायाधीशान, JSW स्टील उपकंपनीक न्यास - विरोधी कायद्याचे उल्लंघन केल्ल्या खातीर 156 दशलक्ष दंड फारीक करपाक सांगिल्ले.	टिप्पण्णी प्रकल्पा कडेन संबंधीत ना.
ii.	उत्तर अस्तंत मोझँबीकाच्या टेटे क्षेत्रात, जिंदाल मोझँबीक मिनरल्स चिरोझी कोळसो प्रकल्प चलयताले. तांच्या आगमना सावन सामाजिक हक्कांचे उल्लंघन, उक्त्या पीट मायनींगा वरवी पर्यावरणाक हानी आनी मोझँबीकन कामाची चुकिची वागणुक केल्ले खातीर जिंदाल जापसालदार आसा.	निरीक्षण समा ना..
iii.	भारतात, जिंदाल ग्रुपाचेर वेगवेगळ्या उल्लंघनाचे आरोप जाल्यात आनी दिल्ली उच्च न्यायालयान दंड घाला. वेगवेगळ्या प्रकारची उल्लंघना आसात; a. कोल गेट घोटाळो: नवीन जिंदाल आनी हेरांचेर भ्रश्टाचार आनी गुन्यावकारी कारस्थानाचे आरोप आसात. b. जानेवारी 2017 त, कोळसो खंड वितरणा उपरांत, दिल्ली उच्च न्यायालयान छत्तीसगड खणीत फ्लाय डंप करपा खातीरची जिंदाल स्टीलाची याचिका रद्द केल्ली आनी 1 कोटी रुपयांचो दंड घाल्लो. c. फेब्रुवारी 2017 त, जिंगाल स्टील आनी हेर अधिका-यांचेर, पर्यावरणीय राखण नेमांचे उल्लंघन केल्ले खातीर FIR नोंद केल्ली. फेब्रुवारी 2017 पुलीसांनी गुन्यावकारी कागाळ नोंद केल्ली जांतुत आरोप केला की अंबा न्हंयच्या लागसार सरकारी जमनीचेर चिपांची झाडां कापल्यात आनी पर्यावरणीय मान्यताय घेयनास्तना न्हंयेत जेटी बांदल्या. d. कंपनीची अर्थीक परिस्थीती प्रस्नार्थक आसा. "डिफॉल्ट" क्रिसील ली. न JSPL's न रु. 32,638 कोटी इतले रीण फारीक करुंक ना आनी दुबळ्या रोख रक्कमीक लागुन मुजतीच्या रीणांवेले कळंतर फारीक करपाक कळाव जाला अशे म्हळां. जानेवारी 2017 त, SBI आनी हेर 8 बँकांनी जिंदाल स्टिल आनी उर्जा लिमीटेड कडल्यान रीण वसुल करपा खातीर सर्वोच्च न्यायालयात धाव घेतली. आमच्या सोतांवेल्या आमच्या हक्कांचो वापर वा मालकी वा हस्तक्षेप करपाक जिंदाल ग्रुप राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार खंयच्या विश्वासाक पात्र ना आनी म्हणुन प्रस्ताव रद्द आनी न्हंयकारुंक जाय.	टिप्पण्णी प्रकल्पा कडेन संबंधीत ना.
97. ज्युडीथ कुतिन्हो, गोंय		
i.	Change.org चेर 900+ लोकांनी ऑनलायन याचिकेचेर सय केल्या "कोळश्याक ना म्हणात"	-
98. परशुराम यु सोनुरलेकर आनी हेर, मुरगांव गोंय		

i.	वेपार आनी उद्देगाची उदरगत जाता जो शंभरेक लोकांक रोजगार निर्माण करता, हांव MPT वेल्या धक्क्यांच्या वाडिक विरोध करीना मात MPT च्या धक्क्याचेर कोळसो हाताळपाक म्हजो खर विरोध आसा.	-
ii.	बंदराचेर केल्ल्या खंयच्याय प्रकारच्या वावराचो पर्यावरण, येरादारीची कोंयडी आनी प्रदुशणाचेर थेट परिणाम करता. बंदर शाराक सद्या येरादारी आनी पर्यावरणीय प्रदुशणाच्यो खुपश्यो समस्या आसात. धक्को 5A, 6A, 8 आनी 9 चो विस्तार वास्को आनी शाराच्या हेर वाठाराच्या उदरगतीक गंभीर समस्या निर्माण करतलो. गंभीर प्रदुशणाक लागुन शाराचो विध्वंस जातलो आनी प्रदुशणाक लागुन जावपी भलायकेच्या धोक्याक लागुन वास्कोच्या नागरीकांक जबरदस्तीन शार सोडचे पडतले.	उपकार करुन 1(iii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
iii.	वास्को आनी शेजारचो वाठार गंभीर कोळसो प्रदुशणाचो त्रास सोसता आनी अस्थमा, नवजात अर्भकांक गंभीर शवसनाच्यो समस्याचो उपचार हांचो त्रास सोसतात आनी बेगोबेग पर्यावरणीय मुल्यांकन करपाक जाय.	उपकार करुन 1(iv) दिल्लो प्रतीसाद पळयात..
iv.	अशे दिसुन आयला की कोळसो धांपपाक कसलेच उपाय घेतले ना. व्हडा प्रमाणात कोळसो हवेत उडता आनी वास्को आनी दाबोळी, चिखली आनी सांकवाळे वाठारा सयत लागसरच्या 8 किमी वाठारात फाफसता. वाणिज्यीक आनी निवासी वाठारात कोळसो बशिल्लो उक्त्या दोळ्यांनी पळोवपाक मेळता.	टर्मीनलावेलो कोळसो सदाच ताडपत्रीन धांपुन दवरतात आनी हवेक लागुन तयार जावपी कण लांब अंतराचेर वचचे न्हंय ह्या खातीर आडावपा खातीर वींड शील्डान संरक्षीत आसतात. उपकार करुन 105 (ii & iii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात..
v.	GPCB न अदानी, SWPL आनी MPT क जायत्यो नोटीसी जारी केल्यात, मात प्रदुशण आडावपाक आनी बंद करपाक तांका अपेस आयला आनी प्रदुशण दिसपट्टे वाडतच आसा आनी प्रस्तावीत वाड लाखांनी नागरीकांच्या जिवीताचो विध्वंस करतली.	GSPCB न दिल्ल्या आदेशांचे योग्य आनी बेगोबेग पालन केल्ले आनी योग्य प्रक्रीयेक पाळो दिवन प्रकरणीचे निराकरण केल्ले. उपकार करुन 105 (ii & iii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात..
99. पिटर सीरील आंद्राद, वास्को, गॉय		
i.	प्रकल्पाच्या प्रस्तावकां कडल्यान कसलोय कोयर घेवपाक मुरगाव नगरपालीका मंडळान (MMC) संमती दिल्या. प्रकल्पाच्या प्रस्तावकां कडल्यान कोळश्याच्या धुल्लान दुशीत कोयर घेवपाक मुरगाव नगरपालीका मंडळान (MMC) संमती दिल्या.	टर्मीनलाचेर तयार जावपी घन कोयर खुप उणो आसा आनी फुडे वीलो लावच्या खातीर MMC क दितात, आनी फुडारातय तशेच करतले.
ii.	तुमी SWPL, अदानी पोर्टस हांका तांचो कोळश्याचो म्हाल 25% उणे करपाचो आदेश दिला, तुमी ह्या आदेशाक कडकपणान पाळो दिला.	GSPCB न दिल्ल्या आदेशांचे योग्य आनी बेगोबेग पालन केल्ले आनी योग्य प्रक्रीयेक पाळो दिवन प्रकरणीचे निराकरण केल्ले.
iii.	प्रस्तावात केपसायज जहाजां हाडपाची येवजण आसा, अश्या तरेच्या केपसायझ जहाजातल्यान सोडपी म्हेळे तेल आनी जहाजाचे तेल हाताळपाचे नियंत्रण करपाक तुमी सक्षम आसात.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो केप सायझ जहाजां सयत वा बगर आसा, जाचो सद्याच्या उदरगतीचेर परिणाम जावचो ना आनी नींबुन ना. तशेच समुद्री वटेनच्या वावराचे नियंत्रण MPT करता.
iv.	श्री दामोदर दिवेकर हांची 23.01.2017 तारखेची क्र. 19020 खाला कागाळ आसा की म्हळे तेल	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावका कडेन निर्देशीत ना.

	बेकायदेशीरपणान हाताळतात, ह्या कागाळीचेर कारवाय कित्याक करुंक ना?	
v.	इतीवृत्तात तुमी उलोवपी हे प्रकल्पाक आक्षेप घेवपी असे नमुद केला, तुमी आमका सांगुक शकतात की कितल्या जाणांनी प्रतीनिधीत्व करुन वा हेर प्रकारान ह्या प्रकल्पाक तेंको दिला?	प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या फावरान लेखी संमती दिल्ले 250 वयर प्रतीनीधी आसात.
vi.	GSPCB न सोनशी गावांतल्या वाठारातल्या 12 मायनींग लीजांक दिल्ली संमती फाटी घेतल्या, जाल्यार सुमार सप्तका आदी तुमी मुरगाव बंदरावेल्या कोळसो आयातदारांक तांची कोळश्याची आयात 25 % नी उणी करपाचो आदेश दिला. एका प्रकरणात तुमी बेगोबेग बंद करतात आनी दुस-या प्रकरणात तुमच्या आदेशाचे आनी संमती दितना तुमी घाल्ल्या अटींचे उल्लंघन करुनय तुमी हाताळणी उणी करतात, हो दुट्टप्पीपण न्हंय	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावका कडेन निर्देशीत ना.
100.	**चिखली, दाबोळी, गोंयातले रहिवाशी, 70 सयो करपी**	
i.	MPT तल्या धक्को 5A, 6a वेले SWPL च्या 7.5 MTPA क्षमतायेच्या सद्याच्या वावराक लागुन, सागरी पर्यावरण, भुंय पर्यावरण, सरभोवतणच्या हवेचो दर्जो, जमिन आनी अभ्यास क्षेत्रात रावपी लोकसंख्येच्या सामाजिक-अर्थीक पैलुंचो -हास केला, जाचो उल्लेख करुंक आनी आधारभूत डेटाचो विस्तार करुंक अहवालात अपेस आयला.	वायु, उदक, पर्यावरण (सागरी नी जमीन) आनी भुंय पर्यावरणाचो तपशीलान आधारभूत दर्जो ईआयए अहवाल, प्रकरण 3 त दिला. देखरेख केल्लो पर्यावरणीय डेटा वायु दर्ज्याच्या नेमांत आसात आनी तशेच बंदर आनी हार्बरा खातीर MoEFCC न निश्चित केल्ल्या वर्ग IV जल दर्जो मानकांत आसात, आडवाद म्हळ्यार कांय अवजड धातू मापदंड जे मानवनिर्मीत उत्पत्ती आसात.
ii.	सद्याच्या वावराक लागुन वायु प्रदुशणाचो आधारभूत पांवडो अधोरेखीत करुंक ईआयए अभ्यासात अपेस आयला. जो मेरेन सद्याच्या प्रदुशणाचो पांवडो कळना आनी सद्या स्थापीत केल्ल्या म्हाल हाताळणी यंत्रणा, धुल्ल बंद करपाची यंत्रणा आनी आडखळी हांचे अपेस स्थापीत जायना, तोमेरेन 15 MTP कोळसो, चुनखडी आदी हाताळणीच्या प्रस्तावाच्या फुडल्या पांवड्यार अहवाल वचूंक शकना.	उपकार करुन 1(iii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
iii.	थळाव्या लोकांमदी श्वसन आनी फुफुसांची दुर्यंसा व्हडा प्रमाणात जाल्यात आनी खासा करुन भुरगी आनी वरिश्ट नागरीकांक दिस रात वा-याचेर उफेंवपी कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन मार बसला, जे MPT च्या धक्को 5a, 6a चेर कोळसो हाताळणी सुरु जाल्ल्या सावन चालु आसा. सागरी जिवीत, वनस्पत, प्राणी हांच्यो कांय प्रजाती नामशेश जांवक ना तरी खुप कमी जाल्यात.	उपकार करुन 1(iii) and 107(i) वयर दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
iv.	फेब्रुवारी 2010 त NIO न केल्लो अहवाल सकयले प्रमाण निश्कर्श काडता. • चिखले खाडीत समृद्ध सागरी जैवविवीधताय - 200 वयर वनस्पत आनी प्राण्यांच्यो प्रजाती उदकांत आसात. कांय प्रजाती जशे की, polychaetes, ज्यो वाठारात ह्या आदी नोंद जावंक नाशिल्ल्यो त्यो प्रजाती गोंयातल्या उदकांत प्रवेश करतात. • चिखले खाडीच्या मोव, मेसी थरात वींडोपॅन ऑयस्टरांचो सैमीक साठो आसा. जरी तांचो आकडो बरे परिस्थीतीत आसलो तरीय तांका अती वापर, प्रदूशण, गाळ साचप आनी हेर मनीस निर्मीत वावराक लागुन भंय आसा. • दिश्टी पडिल्ली मुखेल समस्या म्हळ्यार अती वापर आनी धातूचे प्रदुशण जाका लागुन ही महत्वाची शीपल्यांच्यो प्रजातीं नश्ट जावपाक शकता.	उपकार करुन 5(viii.c) उपकार करुन.

	• 'उक्तो प्रवेश' नुस्तेमारी आनी विध्वंसक तशेच उधळपट्टीच्या नुस्तेमारी प्रथांक लागुंन सैमीक स्रोतांचो अती वापर जाता आनी ते नश्ट जातात. • तापमानात वाड जाल्ल्यान ऑयस्टरांची अवजड धातुंची संवेदनशीलताय वाडता, कारण तापमान जनावरांतल्या अवडजड धातू विखारीपणाच्या सहनशीलतायेचेर परिणाम करता. हाका लागुन ऑयस्टरांचो अती वापर, त्याच वांगडा वाडिल्ले तापमान आनी प्रदूशणाचो पांवडो, खासा करुन अवजड धातू, *P. Placenta* ची लोकसंख्या थळाव्या वाठारात नश्ट जावपाक पावला.	
101.	**रुई एम. डा कोश्टा आरावजो, चिखली जैवविवीधताय वेवस्थापन समिती, चिखली, मुरगांव, गोंय**	
i.	कोळश्याच्या हाताळणी वेळार कोळसो कांय प्रमाण उदकां स्रोत वा न्हंयेत पडता हे सत आसा. कोळसो जैवविवीधतायेचेर परिणाम करचो ना हाची खात्री करच्या खातीर किते उपाय घेतल्यात.	कोळशो, लोह खनीज सारखो बल्क म्हाल बंद ग्रेब अनलोडरान हाताळतले.
ii.	ताचो न्हंयेतल्या जैवविवीधतायेचेर परिणाम जायना हया खातीर किते अभ्यास केला.	उपकार करुन 107(i) उपकार करुन.
iii.	वास्को नगरपालीकेच्या BMC सयत थळाव्या जैवविवीधताय वेवस्थापन समितीची (BMC) भूमीका आसपाक जाय.	प्रतीसाद दिंवक ना
iv.	NIO न केल्लो अभ्यास पळयला आनी तांतुत शिफारस केल्या की चिखली खाडी संरक्षीत वाठार म्हण जाहिर करच्या खातीर प्रक्रिया सुरु करची.	प्रतीसाद दिंवक ना
v.	चिखली खाडी ही वींडोपॅन ऑयस्टरां खातीर (*Placuna Placenta*) प्रजनन सुवात आसा आनी रानां जीव संरक्षण कायदो 1972 खाला ती अनुसूचीत IV प्रजाती आसा.	उपकार करुन 5(viii.c) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात
102.	**मॅगी सिल्वेरा, भारत मुक्ती मोर्चा, दिवाडी, गोंय.**	
i.	MPT त कोळसो हाताळणीक लागुन जावपी प्रदुशणाक लागुन फाटले दसकभर लोकांचो बोवाळ चालू आसा.	उपकार करुन 1(iii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात
ii.	लोकांच्या सहभागा बगर, MoEFCC न MPT क कॅपीटल ड्रेजींग आनी केपसायज जहाजां खातीर सुचालन कालवो खोल करपाक मान्यताय दिवपाक आक्षेप.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
iii.	कर्नाटकांतल्या अंतर्गत वाठारातल्या JSW उर्जा प्रकल्प आनी स्टील फॅक्टरीक कोळश्याची पुरवण करच्या खातीर आनी फेरयेच्या लावाखातीर कालवो खोल करतात.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो कालव्याच्या डिपनींगा सयत वा बगर आसा, जाचो सद्याच्या उदरगतीचेर परिणाम जावचो ना आनी नींबुन ना.
iv.	जेन्ना उदकाचो उणाव आसा, तेन्ना कोळश्याचो उजो पालोवच्या खातीर JSW क दर दिसा 5 लाख लिटर उदक उपलब्ध करुन दिवप शक्य आसा.	उपकार करुन 23(xii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात
v.	कोळश्याची आयात वाडोवप म्हळ्यार मांडवी झुवारी न्हंयात बार्जाची येरादारी वाडप. न्हंयात नुस्तेमारी वावराक लागुन बार्जींची येरादारी गती उणी केल्ल्या खातीर वेदांता सारख्या मायनींग कंपन्यांनी नुस्तेमार खात्यावरवी नुस्तेकारांचेर कागाळ नोंद केल्या. बार्जींच्या येरादारीत वाड जाल्ल्यान नुस्तेमा-यांची उपजिवीका ना जातली.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
vi.	ईआयए अहवाल झुवारी न्हंयेच्या देगेवेल्या काणका आनी ओशेल सारख्या नुस्तेमारी गावांचो उल्लेख ना.	उपकार करुन 23(viii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

vii.	केपसायज जहाजां खातीर कालवो खोल केल्यार पर्यावरण आनी भोवशीक भलायकेचेर परिणाम जातलो, जाचे मोल गोंयकारांक परवडचे ना.	उपकार करुन 109(iii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
viii.	मार्गार बार्जी धुंवप आनी बाकी उरिल्लो कोळसो आनी खनीज मांडवी आनी झुवारी न्हंयांत वडवप हाका लागुन न्हंयेचे प्रदूशण वाडतले जाका लागुन पर्यावरण आनी उपजिवीकेचेर अदमास करपाक जायना अशे आनी उरफाटो करपाक जायना अशे परिणाम जातले.	SWPL कोळसो हाताळणी खातीर सद्या बार्जी वापरना आनी फुडारातय शक्यताय ना.
103.	**डेबी गोयंका, संवर्धन कृती ट्रस्ट, मुंबय**	
i.	सद्याच्या बंदरा खातीर मेळयीलल्यो पर्यावरणीय, रानां आनी CRZ मान्यतायेच्यो प्रती दियांत.	मुरगाव बंदरात दोन भोवउद्देशी म्हाल धक्क्यांच्या (5A & 6A) बांधकामाक GoI, शिपींग मंत्रालयान, (बंदर विभाग) पत्र क्रमांक PD-26018/2/2000-PDZ(CRZ) तारीख 24.01.2001 वरवी, MoEF अधिसूचोवणी क्र. H-11011/6/97-IA.III तारीख 9 जुलै, 1997 (SO क्र. 494 (E) खाला पर्यावरणीय मान्यताय दिल्या.
ii.	उपकार करुन त्या खातीरच्या अनुपालन आनी देखरेख अहवालाच्यो प्रती दियात. ह्या संबंधान दाखल जाल्ल्यो कागाळी आनी केल्ली कारवाय, आसल्यार तांची प्रत दियात.	अनुपालन आनी देखरेखीचे अहवाल, नेमां प्रमाण MoEFCC, RO कार्यालय बेंगलोर हांगा नेमाक सादर केल्याक.
iii.	प्रस्तावीत प्रकल्पाचो कितलो वाठार CRZ वाठारात येता? उपकार करुन CRZ विभागा खाला येवपी दर एका वाठाराचे तपशीलवार वर्णन, नकाशे आनी गुगल चित्रां वांगडा दियात.	CRZ अधुसीचोवणी 1991 आनी 2011 खाला बंदर वावर मान्यतायप्राप्त आसा. धक्को 5A, 6A चेर बंदर वावरा खातीर CRZ NOC विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी पर्यावरण खाते, गोंय हांच्या कडल्यान पत्र क्र. 7/13/90/STE/DIR/140 तारीख 27.09.2000 वरवी मेळयल्या.
iv.	प्रस्तावीत प्रकल्प वाठार आनी अभ्यास वाठारात येवपी चीपांची झाडां, चिखल, प्रवाळीं, मीठाची दलदल, रेंव, फातरट वाठार हांचो तपशील दियात.	किनारी सागरी प्रजाती जशे की प्रवाळीं, कासव, डुगॉन्स, समुद्री तण, चीपांची झाडां आदी हांचेर ईआयए अहवाल, प्रकरण 3: पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.9, पान क्र. 3-61 उपरांत त्या त्या विभागात योग्य तरेन भासभास केल्या.
v.	MoEF न मान्यताय दिल्ल्या CZMP चेर प्रकल्पाच्या प्रस्तावकांन CRZ वाठार आनी HTL – LTL रेशा, बफर वाठार तशेच चिखल, रेवेची टेकडी आनी प्रवाळ्यांचे 1:4000 मापकाचेर प्रतीचित्रण केला? हय जाल्यार, दियात.	MoEFCC ची अधिकृत यंत्रणा, इन्स्टीट्युट ऑप रिमोट सेन्सींग, अन्ना विज्ञापीठान CRZ वाठार आनी HTL LTL रेशेचे मॅपींग CRZ अधिसूचोवणी, 2011 प्रमाण 1:4000 ह्या मापकाचेर केला.
vi.	वाठारातल्या सागरी येरादारीत कितली वाड जावपाची शक्यताय आसा? वाडिल्ल्या सागरी येरादारीक लागुन प्रदुशणात कितली वाड जातली?	सागरी उदकांतलो वावर MPT नियंत्रीत करता, कारण बंदराचे संरक्षण तांची जबाबदारी आसा. SWPL चे सुचालन, जहांजांची हालचाल आनी हेर संबंधित वावराचेर नियंत्रण ना आनी आमी ताचो अचूकपणान अदामास बांधूंक शतनात. 5A आनी 6A धक्क्याचेर येरादारीत उल्लेखनीय वाड आसची ना.
vii.	उदकाच्या दर्ज्याच्या अपेक्षीत अधोगतीचो तपशील उपकार करुन दियात.	विस्तार वावराक लागुन उदकाच्या दर्ज्यात कसलोच उणाव येवचो ना, कारण; a. समुद्रा वटेनच्या वावरात वाड ना. b. कोळश्याचो म्हाल वर्सभर पुरायपणान वॉटरप्रुफ धांपण्या खाला आसा. पावसाच्या दिसानी जालेच जाल्यार म्हालातल्यान व्हांवपी उदक स्थायीक तळ्यात एकठाय करतात आनी

		प्रक्रिया करतात. c. थेट भायर सोडपाक परवानगी ना d. धक्को धुवपाची शक्यताय ना.
viii.	अभ्यास क्षेत्रात कासवांची तांतया घालपाच्यो सुवातो आसात? उपकार करुन सगलो तपशील दियात.	प्रकल्प सुवातेच्या 10 किमी परिघात कासवाच्यो तांती घालपाच्यो सुवातो ना. उपकार करुन, ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.11, पान क्र. 3-62 पळयात.
ix.	निरीक्षण क्षेत्रात हेर खंयचेय धोक्यातले सस्तन प्राणी हाजीर आसात?	अभ्यास वाठारात धोक्यातले सस्तन प्राणी ना. उपकार करुन, ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.11, पान क्र. 3-62 पळयात.
x.	जहाज आनी बार्जांच्या हालचालीचो वाठाराच्या सागरी पर्यावरणाचेर किते परिणाम जातलो?	टर्मीनल 2004 वर्सा सावन कार्यान्वीत आसा आनी अधिसूचीत मुरगाव बंदर वाठारात आसा. सागरी उदका वटेनच्या वावराचे नियंत्रण MPT करता, कारण बंदराचे संरक्षण तांच्या अधिकारात आसा. सुचालन, जहाजांची हालचाल आनी हेर संबंधीत वावरात SWPL चे नियंत्रण ना.
xi.	हाचो सागरी जिवीत आनी पक्ष्यांचे जिवीत आनी थळाव्या नुस्तेमार समुदायाच्या उपजिवीकेचेर किते परिणाम जातलो?	प्रस्तावीत क्षमताय वाडीचो भाग म्हण प्रकल्प प्रस्तावकान कसलोच ड्रेजींग वा सुधारणाचो प्रस्ताव दवरुंक ना. सागरी जिवीत वा पक्षी जिवीत वा हेर वसाहतीत व्यत्यय येवचो ना कारण प्रस्तावीत प्रकल्पा खातीर नवी/अतिरीक्त जमीन वा वॉटरफ्रंटची गरज ना. सुरक्षेच्या कारणांक लागुन बंदर वाठार आनी कालव्याच्या लागसर नुस्तेमारीक मान्यताय ना कारण बंदर ISPS चे पालन करपी आसा.
xii.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागुन नुस्ते धरप आनी नुस्तेमा-यांच्या उपजिवीकेचेर विपरीत परिणाम जातलो. विपरीत परिणाम उणे करपाक आनी नुस्तेमा-यांक तांच्या अर्थीक लुकसाणेची भरपाय दिवपाक किते पावलां उबारल्यात?	सुरक्षेच्या कारणांक लागुन बंदर वाठार आनी कालव्याच्या लागसर नुस्तेमारीक मान्यताय ना कारण बंदर ISPS चे पालन करपी आसा. प्रकल्प 2004 सावन कार्यान्वीत आसा. क्षमतायेतली वाड ही फक्त सुविधेच्या आधुनीकीकरणाचो परिणाम आसा आनी अतिरीक्त वॉटरफ्रंट वा जमनीचो वापर जावचो ना. हाका लागुन प्रकल्पाचो नुस्तेमा-यांच्या उपजिवीकेचेर परिणाम जावचो ना. खरे म्हळ्यार, SWPL CSR वावरा वरवी नुस्तेमा-यांचो सामाजिक अर्थीक दर्जो वाडोवपाक बांधिल्ले आसा.
xiii.	त्या खातीर प्रस्तावीत शमन उपाय खंयचे?	वावराचे आधुनिकीकरणा वांगडा अदीक प्रभावी, एकवटीत आनी कार्यक्षम वायु प्रदुशण नियंत्रण उपाय (APCMs) येतले. संवेदनशील घटकां वांगडा पर्यावरणाचेर विपरीत परिणामात वाड जावपीची शक्यताय ना. शमन उपाय प्रकरण 4, परिणाम मुल्यांकन आनी शमन उपाय, पान 4-1 हांगा प्रस्तावीत आसात.
xiv.	कितल्या प्रमाणात म्हालाचे ड्रेजींग जातले?	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण ड्रेजींग प्रस्तावीत ना.
xv.	ते खंय वडयतले?	उपकार करुन 110(xiv) हाका वयर दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
xvi.	प्रस्तावीत प्रकल्पाचो भूय वापर तपशील आनी भुंय वापर नकाशो आनी हरीत पट्टो आराखड्याचो	प्रकल्पाचो ईआयए अहवाल GSPCB च्या संकेतस्थळार प्रदर्शीत केला. ईआयए अहवालात, प्रकरण

	तपशील दियात.	3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.13 हांगा वाठाराच्या भुंय वापर नमुन्याचो तपशील दिला. भुंय वापरात बदल आसचो ना. प्रकल्पाच्या वाठारात 1400 m^2 (अंदाजे) जांतुत 700 झांडा रोयील्लो हरीत पट्टो उबारला. हरित पट्ट्याच्या उदरगतीची आवश्यकताय सामान्यपणान, पुराय बंदर सुवाते खातीर हातात घेतात. कार्यान्वीत अनिवार्यतायेक लागुन प्रत्येक धक्क्या खातीर विस्कटावप करतात खुपश्या वेळार शक्य जायना. मात, वाठार हरीत करुंक आनी क्षणीक उत्सर्जन आडावपाक सगले यत्न करतात. झुडपां आनी लांब केनोपी झांडा रोवन, पानांची घनता वाडोवपाचो प्रस्ताव आसा.
xvii.	म्हालाच्या अतिरीक्त येरादारीक लागुन रस्तो आनी रेल्वे साधनसुविधेचेर किते परिणाम जातलां?	प्रकल्पात सद्या म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जायना आनी आधुनिकीकरण प्रकल्पात ती प्रस्तावीत ना. रेल्वे रुळाच्या विस्ताराचो SWPL कडल्यान प्रस्ताव ना. म्हालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुवीधेत आस्पावन घेवपाक जाता.
	• वॅगना वयलो पॅरासिटीक लोड हवेंत हुबता तशेंच परततना ताचेर उरिल्लो कोयरूय हवेंत हुबता. तो उणो करपाची यंत्रणा उपलब्ध ना.	वॅगन टिपलर यंत्रणा वापरून गन्तव्य थळाचेर वॅगन पुराय पणान रित्यो करतात. ट्रेन कार्गोत परततना कसलोच अवशेशी माल उरना. चडशे फावटी ते परततना लेगीत माल हाडटात, देखून त्यो सारक्यो रित्यो केल्या नात, जाल्यार परतनाचो माल खराब जातलो.
	• रॅक वतले येतले लायनीचेर तपासणी कैंद्र बसोवपाक जाय आनी ताचो खर्च कंपनीन करपाक जाय आनी ताची देखरेख गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान करपाक जाय.	प्रकल्प प्रस्तावक हे बाबतींत गों.रा.प्र.नि.मं.चे आदेश मानून घेतलो.
i.	कोळसो हाताळणी वाडटकीच रॅकांची संख्या वाडटली आनी ताका लागून रेल्वे क्रॉसिंगाचेर गर्दी जातली. सगळ्या मुखेल क्रॉसिंगांचेर ओवर ब्रीज बांदचे.	रेल्वे वाहतूक आनी येरादारी वेवस्थापन प्रकल्प प्रस्तावकाच्या अधिकारक्षेत्रांत आनी नियंत्रणा खाला ना.

j.	कंपनीन आतां मेरेन पर्यावरण नेमांची मात लेगीत पुर्तताय करूंक ना. राज्य सरकारान विधान सभेंत कंपनीच्या पर्यावरणी पुर्ततायेविशीं आपूण समाधानी ना अशें सांगला. देखून प्रदुशण नियंत्रण मंडळान तांकां कोळसो हाताळणी कमी करपाक सांगल्या. अशे स्थितींत प्रकल्प प्रस्तावकाक विस्तार करपाक कसो दिवं येता? जो मेरेन गों.रा.प्र.नि. मंडळान स्रोत अभ्यास करूंक ना, तो मेरेन कंपनीक विस्ताराक मान्यताय दिवपाक जायना. तांणी सकयल्ले मुद्दे मांडले:	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	• ही प्रकल्प सुवात सी.आर.झेड. वाठारांत पडटा. तांची परवानगी घेवंक ना.	सी.आर.झेड. मान्यताये खातीर एस.डब्लू.पी.एल.न जी.सी.झेड.एम.ए.क अर्ज केला.
	• चिखली सांकवाळ खाडीच्या जैव-विविधतायेचेर जावपी पर्यावरणी प्रभावाचो अभ्यास करूंक ना.	हो प्रस्ताव सद्याचे सुविधेच्या आधुनिकीकरणा खातीर आसा. नवें क्षेत्र वा उदकांतली सुवात गरज पडची ना. देखून, संभाव्य प्रभावाची तपासणी आनी मोलावणी जाल्ली आसली तरी प.प्र.त. अहवालांत ती दिवंक ना आनी तिचो आसपाव अंतीम प.प्र.त. अहवालांत करतले.
	• प.रा.ह.ब. मंत्रालयाच्या 30.05.2012 च्या पत्रा प्रमाण पुर्तताय अहवाल प्रकल्प प्रस्तावकान भेटोवंक ना.	ई.सी. पूर्तताय नेमां प्रमाण नियमीतपणान करतात. बेंगलोरच्या प.रा.ह.ब. मंत्रालयाच्या आर.ओ. कडल्यान पुर्तताय दाखलो मेळपाची प्रक्रिया चालू आसा.
k.	2001 वर्सा पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयान राज्य सरकारा कडल्यान बांदकामा खातीर लायसन्स घेवपाक सांगिल्ले. ह्यो खंयच्योच गजाली तांणी पुराय करूंक ना.तांणी पयल्या इ.सी.चे उल्लंघन केलां आनी हाचे फुडें लेगीत ते करीत रावतले.	कंपनीक 24 जानेवारी, 2001 दिसा जारी जाल्ले ई.सी.न. आपल्या अट(i) भितर "बांदकाम उपक्रमां कडेन संबंदीत सगळ्या आरचनांक/आरेखाटनांक संबंदीत सरकारी खातीं/ गोंय राज्य सरकाराच्यो सगळ्यो यंत्रणा" हांची मान्यताय गरजेची अशे म्हणला. हो प्रकल्प मुरगांव पोर्ट ट्रस्टाच्या अधिसुचीत उद्देगीक वाठारांत आस्पावता आशिल्ल्यान, गोंय सरकाराच्या हेर खंयच्याय खात्या कडल्यान परवानगी घेवप लागू जावंक ना. हरीतपट्टो विकासा संबंदी, आमी सकयल दिल्ल्यो गजाली नदरेक हाडून दिवंक सोदतातः 1. प्रकल्प थळाचेर 700 झाडांचो आसपाव आशिल्लो 1400 मी2 चो हरीतपट्टो विकसीत केला. 2. हरीतपट्टो विकासाची गरज सामान्यपणान पुराय बंदर वाठारा वेल्यान थारायतात. बर्थाप्रमाण ताची विभागणी कार्यान्वयन गजालींक लागून खूबशे फावटी शक्य जायना. पूण पुराय वाठार पांचवोचार आनी हुबपी धुल्ल आडावन दवरपी जातलो हे खातीर सगळे तरेचे यत्न करतले.
6. ॲड. श्रीधरन		

a.	वास्कोच्या नागरिकांनी दोन वर्सा पयलीं हायकोर्टांत दाखल केल्ले केसीक लागून कंपनीच्या प्रदुशणाचे स्तर वाडिल्ल्याचें कोर्टाचे नदरेक आयलें. फायर स्टेशन, वीज खातें आनी एम.पी.टी. केंद्रांचेर झाडां आनी बिल्डिंगांक लागून सांवट येता. ताका लागून स्तर मेजणी चुकता. देखून थंयचीं केंद्रां हालोवचीं.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	प्रदुशण नियंत्रण मंडळ ही तपासणी कित्याक करीना? नेरीच्या आदेशा प्रमाण आशिल्लें केंद्र बंद कित्याक केलें?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	हायकोर्टाचो आदेश गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान, कोळसो हाताळप्यांनी आनी सगळ्या खात्यांनी पाळूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
7.	श्री. तेर्‍रान्स जॉर्ज, बांबोळी	
a.	10 कि.मी. भोवतणीच्या वाठारांतल्या सगळ्या गांवांक हो अहवाल पावला काय ना? आपले माहिती प्रमाण हो अहवाल पावूंक ना. देखून ही एक पूर्व-अट आशिल्ल्यान हो अहवाल दिवंक ना म्हणून आयची सुनावणी रद्द करची अशी तांणी मागणी केली.	प.प्र.त अहवालांत 19 गांवांची वळेरी अनुभाग 3.20.1, पान क्र. 3-77 भितर दिल्या. प.प्र.त. अहवालाच्यो प्रती गों.रा.प्र.नि.मं.न विंगड विंगड सुवातांचेर दवरल्यात.
b.	तुमी मांडिल्ली हरकत नोंद करून ई.ए.सी.क आनी पर्यावरण खात्याक कळयतले अशें सभेच्या अध्यक्षांनी सांगलें.	-
c.	बाधीत गांवांक हो अहवाल आनी कार्यकारी सारांश मेळूंक नाशिल्ल्यान ते हांगां येवंक पावले ना. देखून ही आयची सुनावणी रद्द करची.	प.प्र.त. अहवालाच्यो प्रती गों.रा.प्र.नि.मं.न विंगड विंगड सुवातांचेर दवरल्यात आनी प्रकल्प वाठारांत वांटल्यात. नियमां प्रमाण, प.प्र.त. अधिसुचोवणी, 2006 चे अनुसूची III(ए) प्रमाण प.प्र.त. अहवालाच्या मसुद्याचो कार्यकारी सारांश थळावे भाशेंत उपलब्ध केला.
d.	ताजेर अध्यक्षांनी आयचे भौशीक सुनावणे विशीं इलॅक्ट्रोनीक माध्यमां, स्थानीक चॅनलांचेर लेगीत खूब प्रसिद्घी केल्ली. म्हणून तेर्‍रान्स हांची सुनावणी रद्द करपाची मागणी तांणी कुशीक दवरली.	-
e.	श्री. जॉर्ज हांणी आयची भौशीक सुनावणी मंडळाचे वेबसायटीचेर प्रसिद्ध करूंक नाशिल्ल्यान	हें विधान सारकें ना. प.प्र.त. अधिसुचोवणी, 2006 भितर उल्लेख केल्ले प्रमाण भौशीक सुनावणेचे प्रक्रियेक पाळो दिला.
f.	सं.सं.चो परिच्छेद 2.2 चें उल्लंघन कंपनीन केल्लें आसा.	कॅपिटल ड्रेजिंग प्रकल्प स्वतंत्रपणान चालू करपा विशीं सांगपी प.प्र.त. अहवालाच्या परिच्छेद 2.2 चें उल्लंघन जावंक ना. प्रस्तावीत आधुनिकीकरण ड्रेजिंगा सयत वा ड्रेजिंगा विणें जातलें हे गजालीचो आमी पुनरुच्चार करतात.

g.	बाधीत पंचायतींक प.प्र.त. अहवाल आनी कार्यकारी सारांश पावंक ना देखून आयजची भौशीक सुनावणी फुडें धुकलपाक जाय.	गों.रा.प्र.नि. मंडाळान वांटपाचे सगळे दुकुमेंत वांटल्यात. प.प्र.त. अधिसुचोवणी, 2006 तले प्रक्रिये प्रमाण संदर्भा खातीर अधिसुचीत सुवातांनी लेगीत कांय दस्तावेच दवरिल्ले.
	अध्यक्षांनी पर्यावरणी प्रभाव तपासणीचे अनुसूची 2.4 चेर भर दिवन सांगलें, कार्यकारी सारांश सगळ्यांक दिल्लो आसा आनी ही सुनावणी हाचे पयलीं दोन फावटी फुडें धुकल्ल्या आनी आजून मेरेन अहवाल पावूंक ना म्हूण कागाळ करपी एकूय अर्ज येवंक ना, देखून ही सुनावणी रद्द करप शक्य ना अशें तांणी सांगलें.	
8.	**फादर एरिमीतो.**	
a.	तेर्‍यान्स जॉर्जाच्या मता कडेन आपूण सहमत आसा. देखून हया प्रकल्पाचो निशेध करतां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	वास्कोंतलें आनी भोवतणीचें लोक प्रस्तावीत कोल हबाक विरोध करतात.	प्रकल्प आधुनिकीकरणाक लागून खंयचेंय 'कोल केंद्र' प्रस्तावीत ना.
c.	वास्कोंतले कोळसो प्रदुशण गंभीर आसा. कांय व्यक्तींच्या स्वार्था खातीर सरकार अश्या प्रकल्पांक तेंको दिता.	विधान सारकें ना.
d.	पर्यटन गोंयचें महसुलाचें मुखेल साधन. कोळसो उत्पादन वाडलें जाल्यार पर्यटन काबार जातलें हाचो अभ्यास कंपनीन करूंक ना. दाबोळी विमानतळाचेर आनी पर्यटन आनी भोंवडी वेवसायांतल्या लोकांचेर हाचो विपरीत परिणाम जातलो.	आमची 1 घ. आनी 3 ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
9.	विक्रम, बायणा	
a.	आयज कामांक सुटी आशिल्ल्यान एम.पी.टीं.त कोल राशींचेर ताडपत्री धांपिल्ली ना. पॅनल मेंबरांक हें पळोवपाक तांणी हया वेळार आपयले. एम.पी.टी. कायद्याचें उल्लंघन करता तें स्पश्टपणान पळोवंक मेळटले.	विधान/संदर्भ सारको ना. राशी दाळपाचो आनी उसपुपाचो वेळ सोडून हेर सगळ्या वेळार आमच्यो राशी धांपिल्ल्योच आसतात. अपवादाच्या वेळार उदक फवारणी चलता.
b.	वास्कोकारांक दुयेंसां जाल्यांत आनी सरकारी खातीं मात तांकां सहकार्य करिनात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
10.	**ॲड. ग्लेर्क डिसोझा, अध्यक्ष, सेव्ह वास्को सिटिजन कमिटी.**	
a.	खूब वर्सां सावन कोल हाताळणी वेवसायांतलें प्रदुशण उणें करपाक हयो कंपनी उण्यो पडल्यात. तांकां ते बाबतींत अपेस आयलां.	आमची 1 घ क दिल्ली जाप आनी हेर संबद्ध जापो पळोवच्यो.
b.	गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान आपणाक जुलाय, 2005 त गोंयांत हाडिल्लो कोळसो कर्नाटकांत धाडटात अशें बरयलां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

c.	वास्को शारांत मुखावयली कोळसो हाताळणी/विस्ताराक तांणी विरोध केलो.	प्रतिक्रिया दिवंक सोंदिनात
11. आमदार श्री. आलॅक्स रेजिनाल्ड.		
a.	10 आनी 11 हे बर्थ आजुनूय चलतात.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
b.	b. कंपनीन केल्लें सादरीकरण अत्यंत बालीश आसा. गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान खंयच्याच भंयाक बळी पडनासतना निडर आनी निश्पक्षपणान वास्कोंतल्या प्रदुशणा विशीं अहवाल दिंवपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	गोंयकार अधिकाऱ्यांनी आनी मंडळान आपल्या कुसैंसाक धरून काम करपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	वास्को शाराक कोल हब करपाच्या प्रस्तावाक तांणी पुराय रितीन विरोध उक्तायलो.	प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाचो उद्देग गोंयांक 'कोळसो केंद्र' करपाचो ना.
12. रॉनी डिसोझा, नुस्तेंकार.		
a.	नुस्तेंकार समाजान ह्या वेवसाया विशीं आनी तांच्या धंद्याचेर जावपी परिणामा विशीं साबार हरकती घेतल्यात. तांच्या वेवासायाचेर ह्या प्रकल्पाचो खूब परिणाम जाता. वूडचिप्स आनी जिप्सम हांकां लागून प्रदुशणांत खुबूच भर पडल्या.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
b.	हो हाताळणी प्रकल्प चालू उरतलो काय बंद पडटलो असो प्रस्न तांणी गोंय राज्य प्रदुशण मंडळाक विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	ताचेर सगळ्यो हरकती नोंद करतले आनी त्यो पर्यावरण आनी रान मंत्रालयाक धाडटले आनी ते ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवची वा ना तें थारायतले, अशें अध्यक्षांनी जाप म्हूण सांगलें.	-
13. श्री. चंद्रशेखर वस्त, वास्को.		
a.	प्रकल्प प्रस्तावक आनी हेर कोळसो हाताळपी कंपन्यो प्रदुशण नियंत्रणाचे कसलेच उपाय राबयनात. कांय उद्देजकांचेर फावोर करपा खातीर खातीर गोंय सरकार वास्कोक कोल हब करूंक भायर सरलां.	विधान सारकें ना.
b.	जर एखादऱ्या दुचाकी वाहना कडेन प्रदुशणाचो दाखलो नासत जाल्यार ताका सरकार तालांव दिता. पूण प्रदुशण करपी कंपनीचेर मात सरकार कसलीच कारवाय करीना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावाक विरोध केलो.	प्रतिक्रिया दिवंक सोदिनात
14. श्री. फ्लोरयानो लोबो, अध्यक्ष, गोवा एनवायरोमेंट प्रॉटेक्शन.		
a.	प्रकल्प प्रस्तावकाक कोळसो हाताळणेचें प्रदुशण नियंत्रीत करपाक अपेस आयला. तांकां	1. घ. क. दिल्ली जाप पळोवची

b.	कोंकणी भाशेंतल्यान ह्या अहवालाची प्रत संबंदीत गांवांक पावूंक नाशिल्ल्या बद्दल तांणी विरोध व्यक्त केलो.	7 ग. क. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	गोंयांत 1961 सावन कोळसो उद्देग चलता आनी सेगीत प्रदुशण करता. जर कोळसो हाताळणी थारूंक ना जाल्यार वास्कोकार रस्त्यार येतले.	एस.डब्ल्यू.पी.एल.चो कोळसो हाताळणी प्रकल्प सगळ्या निर्धारीत नियमांक पाळो दितलो आनी प्रदुशण नियंत्रण सुसज्ज आसा.
d.	केंद्र सरकारान वास्कोंतल्या लोकांचेर कोळसो उद्देग थापून तांकां धमकावपाक जायना.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
e.	केंद्र सरकाराच्या ह्या आडमुठ्या धोरणाक लागून गोंयाक भारता पासून मुक्त करपाक जाय.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
15. ऑलेन्सियो सिमोयश, जनरल सेक्रेटरी, गोंयच्या रांपणकारांचो एकवट.		
a.	पर्यावरणी प्रभाव तपासणी अहवाल प.प्र.त.च्या 2.2 खालाच्या तरतुदी प्रमाण लोकांक उपलब्ध करूंक ना.	7 ग. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	बाधीत गांवांतल्या लोकांक थळावे भाशेंत अहवाल दिवपाक जाय आशिल्लो, तो कंपनीन दिल्लो ना.	7 ग. क. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	10 कि.मी. अंतराच्या गांवांचेर प्रकल्पाच्या जावपी परिणामांचो अभ्यास करूंक ना. बाधीत गांवांक अधिसुचीत करी मेरेन आनी थळावे भाशेंत लोकांक प.प्र.त. अहवाल उपलब्ध करी मेरेन ही सुनावणी स्थगीत करची.	10 कि.मी. आघात-प्रवण शिमे खातीर प.प्र.त. केल्या. 7 क आनी 7 ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
d.	हाचे विशीं हे आदींच निर्णय घेतला, ही भौशीक सुनावणी चालू उरतली, लोकांच्यो सुचोवण्यो नोंद करून घेतले आनी पर्यावरण मंत्रालयाक धाडटले, अशें ताचेर जाप दितना अध्यक्षांनी सांगलें.	-
e.	हे सभेंतल्यान भायर सरून जिल्ल्याधिकाऱ्यान अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्याक फुडले सुनावणेचो अधिभार दिल्ले खातीर हरकत घेतली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	कोंकणींतल्यान प.प्र.त. अहवाल नासतना लेगीत सुनावणी फुडें चालू दवरपाच्या अध्यक्षाच्या निर्णयाक विरोध केलो.	7 ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
g.	वॅपकोसान तयार केल्ल्या अहवालांत जायते संबद्ध विशय घेवंक ना देखून तांणी प.प्र.त. अहवालाक विरोध केलो.	विधान सारकें ना.
h.	आपली हरकत मानून ना घेवपाच्या अध्यक्षाच्या निर्णयाची नोंद जावची आनी ती प.रा. मंत्रालयाक निर्णया खातीर धाडची.	जाप दिवंक ना.

i.	5(ए) आनी 6(ए) बर्था वयलें धुल्ल प्रदुशण उणें करपा खातीर कंपनीन कसलेंच उपाय करूंक नात.	1 घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
j.	हें कोळसो प्रदुशण इतलें गंभीर आसा, ताका लागून नुस्तेंकारांच्या फुडाराचेर परिणाम जाता. माध्यमांनी आतां मेरेन ते विशीं जायतें छापून आयिल्लें आसा. तरी लेगीत कंपनीन कसलेच तरेचे आदेश दिवंक नात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
k.	व्हडा प्रमाणाचेर कोळसो-मिश्रीत पाणी कंपनी दर्यांत सोडटा. ताका लागून दर्यांत ब्लॅक पॅचीस निर्माण जाल्यात जाका लागून वनस्पती आनी प्राणी जिवन नश्ट जायत आसा.	विधान सारकें ना. बल्क कार्गोचेर जावपी उदक फवारणी नियंत्रीत आसता आनी तें उदक कार्गोंत रिगता/मुरता. पोर्ट टर्मिनला वयल्यान कसलेंच सांडपाणी दर्यांत वचना. लिचेट आसलेंच जाल्यार तें एका सांठवण-फोंडांत एकठांय करतात, जंय गाळ तळाक बसता. तळाक बशिल्ले घनकण थरावीक अंतरान एकठांय करतात आनी तांचो सुरक्षीतपणान विलो लायतात.
l.	कंपनी दिसाक जें 7 लाख लिटर उदक वापरतली ताजे विशीं कसलोच प्रस्ताव ना.	5. ड. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
m.	इतलें व्हड प्रमाणांत उदक वापरिल्ल्यान सामान्य मनशांक उदकाचो तुटवडो निर्माण जातलो.	5.ई क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
n.	5(ए) आनी 6(ए) बर्थांचेर कोळसो हाताळणेक लागून कोळसो मिश्रीत उदक दर्यांत गेल्ल्या कारणान नुस्तेंकारांचेर परिणाम जाता. कोळश्याची दर्यांतली गळटी आडावपाक कसलेच उपाय कल्ले नात.	15 ट क दिल्ली जाप पळोवची
o.	ट्रकांतल्यान कोळसो हाडिल्ल्यान धुल्ल प्रदुशण जाता तशेंच गांवांतल्या रस्त्यांची दुर्दशा जाता. प्रस्तावीत प्रकल्पांतल्यान जावपी अतिरिक्त कोळश्याची हाताळणी करूंक फावो तितली साधन सुविधा आसा?	3 ज क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
p.	वाडीव कोळसो हाताळणेक लागून थळावे जल जिणेक आनी लोकांच्या/नुस्तेंकारांच्या पोट भरपाच्या साधनाक जावपी हानी भरून काडपाक कसलोच प्रस्ताव ना.	15 ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची. भूंये वयल्या सामुग्री हाताळणे कडेन नुस्तेमारीचो कांयच संबंद ना.
q.	उजो लागप वा वादळ येवप ह्या कारणांक लागून जावपी आपत्ती सामकारावपाक आपत्ती वेवस्थापनाची कसलीच तरतूद ना.	प.प्र.त. अहवाल, पाठ 6 : धोको/जोखीम विश्लेशण आनी आपत्ती वेवस्थापन येवजण, हातूंत सैमीक आनी मनीस-निर्मीत संकश्टांचो विचार केला तशेंच तांचे खातीरची सज्जताय आनी प्रतिक्रिया येवजण तयार केल्या.

r.	प.प्र.त. अहवालांत सुरवेक कॅपिटल ड्रेजिंग अशें म्हणिल्लें तें उपरांत मेंटेनन्स ड्रेजिंग जालें. वॅप्कोसाच्या हया चुकीच्या अहवालाक लागून एम.पी.टी.क 50 कोटी रुपयांचो दंड भरचो पडलो. वॅपकोसाच्या सद्याच्या प्रकल्प प्रस्तावकाच्या हया प.प्र.त. अहवालाक विरोध केलो.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
16. **श्री. सिद्धेश भगत, नावेलीं.**		
a.	सुनावणेच्या लोकांक उदक दिवपाक प्र.प्र.काक जमले ना. पूण कंपनी मात दिसाक 7 लाख लिटर उदक वापरूंक सोदता.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना. पूण प्रदुशण नियंत्रणा खातीर वापरपाचें उदक 2300 कि.ली./दी. क्षमतायेच्या भौ.बां. खात्याच्या सी.ई.पी.टी. तल्यान मेळयतले.
b.	वास्कोकारांचे भलायकेचेर जावपी विपरीत परिणाम पयसावपाक घेवपाचे उपाय प.प्र.त. अहवाल आनी प्र.प्र.चें सादरीकरण हांतूत सांगिल्ले नात. हया प्रकल्पाक जर परवानगी दिली जाल्यार वास्कोचें कोळश्याच्या केंद्रांत रुपांतर जातले.	1 क आनी 1 घ'क दिल्ली आमची जाप पळोवची. कोल केंद्र प्रस्तावीत ना. क्षमताय वाड फकत सुविधेच्या आधुनिकीकरणाचो परिणाम जावन आसा.
c.	सगळ्या लोकांच्यो भावना पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल खात्या कडेन सरकारान सारक्यो पावोवच्यो.	जाप दिवंक ना.
17. **श्री. सिडनी फुर्तादो.**		
a.	फिशींग ट्रॉलर बर्थ 11 चेर ट्रॉलर लायता. बर्थ 10 आनी 11 चेर कोळसो हाताळणी बंद केल्ले खातीर मंडळाची तुस्त केली. प्रदुशण नियंत्रणाचे कसलेच उपाय करीनासतना अदानी आनी जिंदाल कोळसो हाताळणी प्रकल्प चलयतात.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना. 1 घ'क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	कोळसो हाताळणी प्रकल्प आनी ताचो विस्तार हांकां तांणी विरोध केलो आनी बेगिनांत बेगीन टप्प्याटप्प्यान कोळसो हाताळणी पुराय रितीन बंद करची.	जाप दिवंक ना.
c.	जे यंत्रणेन प.प्र.त. अहवाल तयार केला तो अर्दकुटो आनी चुकीचो आसा.	वॅप्कोस ही भारत सरकाराचो उपक्रम आशिल्ली, एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा. ती प.रा.ह.ब. मंत्रालयान मान्यताय दिल्ली, साबार तरेच्या प्रकल्पांचो अणभव आशिल्ली कंपनी आसा. प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो सं.सं. आनी मानक नियमावली आनी मार्गदर्शिके प्रमाण प.प्र.त. भोवच बारीकसाणेन तयार केला.
d.	वास्कोंतले प्रदुशणाचें स्तर भोवच उंच आसात आनी ही गजाल फाटलीं कांय वर्सां चलता. कंपन्यांनी हरीतपट्टो निर्माण करूंक जाय त्या उपायांची अमलबजावणी कंपनी करीना.	विधान सारकें ना. 5 द'क दिल्ली आमची जाप पळोवची. वयर नमूद केल्ले पर्याप्त उपाय करूंक कंपनी सज्ज आसा आनी ते उपाय वयर दिल्ल्या साबार जापांनी आयल्यात.

e.	जे.एस.डब्ल्यू. आनी अदानी बंद कंटेनरांतल्यान कोळसो व्हरूंक न्हयकार दितात.	विधान सारकें ना. 3 म'क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	पावसांत कोळश्याक लागून पुराय उदक काळें जाता अशें नुस्तेंकारांक दिश्टी पडलां. ताचेर मंडळान कारवाय करची आनी ल्हवू ल्हवू कोळसो हाताळणी बंद करची.	कोळश्यांच्यो राशी उदकरोधी धांपण्यांनी धांपून दवरतात आनी त्यो कोंसळच्यो न्हय म्हणून आरत्यों-परत्यों प्रतिबंधक धडो बांदतात. देखून कोळश्याच्या राशींतल्यान प्रवाह अपेक्षीत ना. पावसांत तशी व्हांवती आसलीय जाल्यर ती सकयल्ल्या फोंडांत/टांकयेंत एकठांय करतात. अशे तरेन कोळसो हाताळणेंतल्यान सांडपाणी व्हांवतेची शक्यताय नाच म्हणल्यार जाता.
18. श्री. गांधी हॅनरीक्स, वास्को.		
a.	आयची सुनावणी एन.जी.टी.च्या 2/9/2016 तारखेच्या निकालाक लागून घडटा.	विधान सरकें ना. प्रस्तावीत प्रकल्पाचो केन्नाच एन.जी.टी. मुखार संदर्भ येवंक ना.
b.	एन.जी.टी.न प.रा. मंत्रालया कडल्यान ड्रेजिंगा खातीर इ.सी. मागून घेतिल्ली. पूण एन.जी.टी.न ती दिवंक ना.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
c.	तीन दीस चलिल्ले भौशीक सुनावणेक विरोध केलो.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
d.	हाचे पयलीत 60% ड्रेजिंगाचें काम जर जाल्लें आसा जाल्यार ही सुनावणी जायच तरी कित्याक?	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
e.	लोकांच्यो हरकती मानून घेतल्यो जाल्यार एम.पी.टी. हे सुवातेक मुळावे स्थितींत हाडटली व्हय?	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
f.	हया प्रकल्पाच्या विस्ताराक आपलो खर विरोध आसा.	जाप दिवंक ना.
19. श्रीमती स्वाती केरकार, केरी, फोंडें.		
a.	वास्को एक कोळश्याचे केंद्र जातलें म्हणून आपूण हया प्रकल्पाक विरोध करतां.	वास्कोचें 'कोळसो केंद्रांत' रुपांतर जाता हया मता कडेन आनी सहमत ना. उत्पादनांतली वाड ही कुशळटाय वाडिल्ल्यान आनी पोन्नी उपकरणां बदलिल्ल्यान आसा.
b.	आयज सोनशी गांवांत जें प्रदुशण जालां तें बंद करपाक लेगीत प्रदुशण नियंत्रण मंडळाक अपेस आयिल्लें आसा. जाल्यार कोळसो हाताळणेचें प्रदुशण कशें कितें बंद करतलें?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	सरकारी खातीं काम करीनात जाल्यार वास्कोचें लोक रस्त्यार येतले आनी आंदोलन करतले.	जाप दिवंक ना.
d.	मंडळाक राज्यांतलें आनी कोळसो प्रदुशण नियंत्रण करपाक अपेस आयलां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	राज्य आनी केंद्र सरकार लोकांचेर जे.एस.डब्ल्यू. सारके प्रकल्प थापतात.	जाप दिवंक ना.
f.	सरकारी अधिकाऱ्यांनी लोकांचे वटेन काम करचें, लोकांच्या विरोधांत न्हय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

g.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक आपलो खर विरोध तांणी उक्तायला.	जाप दिवंक ना.
20. श्रीं. डॉम्नीक नोरोन्हा.		
a.	तांणी हया प्रकल्पाक विरोध उक्तायलां.	जाप दिवंक ना.
b.	अहवालांत घेतिल्ली म्हायती 2011 च्या जनगणने प्रमाण घेतल्या देखून ती पोन्नी आसा. देखून तिचेर विस्वास दवरपाक जायना कारण आयज आमी 2017त आसात. देखून नवी माहिती घेवन प.प्र.त. अहवाल परतून बरोवचो.	पर्यावरणी मुळाधार स्थिती खातीर दुय्यम स्रोत म्हूण 2011 ची जनगणना माहिती वापरल्यात, जें प.प्र.त. मार्गदर्शिकें प्रमाण आसा आनी ती एक सर्वमान्य पद्दत जावन आसा. प.प्र.त. भितर प्रत्यक्ष दखलपात्र समाजीक प्रभाव दिश्टी पडूंक नाशिल्ल्यान, मुळावी माहिती संकलीत करूंक ना.
c.	कंपनीन ज्या 19 गांवां विशीं अभ्यास केला तांची नांवां विचारलीं.	पाठ 3 भितर उल्लेख केल्ले प्रमाणची नांवां (पर्यावरणी मुळाधार स्थिती) प्रकल्प-प्रस्तावकान वाचून दाखयली.
d.	कंपनीच्या प्रस्तावकान तांकां तीं नांवां वाचून दाखयलीं.	20 ग'क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	प.प्र.त. अहवालांत अभ्यास केल्ल्या गांवांचीं नांवां येवंक नात. ताका लागून हो अहवाल चुकीचो थारता.	प.प्र.त. अहवालाच्या पाठ 3, अनुभाग 3.20, पान क्र. 3 - 77 चेर प्रकल्प वाठाराची समाजीक-अर्थशास्त्रीय वळख घडयल्या.
f.	थळाव्या लोकांचेर जावपी समाजीक-अर्थीक परिणामां विशीं अहवालांत उल्लेख ना.	ही माहिती प.प्र.त. च्या पाठ 4 अनुभाग 4.4 पान क्र. 4-17 मदीं दिल्या.
g.	संबंदीत थळाव्या पंचायतिंनी हया प्रकल्पाक मान्यताय दिल्ली ना.	प.प्र.त. खातीर, खासा करून जेन्ना तो अधिसुचीत बंदर वाठारांतलो प्रकल्प आसता, तेन्ना ताका थळाव्या प्राधिकरिणींचे मान्यतायेची गरज आसना.
h.	थळाव्या खात्यांनी लेगीत हया प्रकल्पाक मान्यताय दिल्ली ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	आतां मेरेन गोंयची धारण-क्षमताय (कॅरियींग कॅपॅसिटी) थारावंक ना. ती बेगिनांत बेगीन थळाव्या सरकारी अधिकाऱ्यांनी थारावची.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
21. श्रीं. सायमन परेरा, वास्को.		
a.	अदानी कंपनीन ऑस्ट्रेलियांत केल्ल्या जायत्या बेकायदेशीर वावराक लागून तांकां भोवच दंड घातला.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
b.	ते तुळेन भारतांत मात तांचेर प्रदुशण केल्ले खातीर कांयच कारवाय जायना.	विधान प्कल्पा कडेन संबद्ध ना.
c.	राज्य सरकारान ऑस्ट्रेलिया सरकारा भशेनूच कारवाय करची. तशेंच हया प्रकल्पा संबंदान 10 कि.मी. वाठारांतल्या लोकांचो ओपिनियन पोल घेवचो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	भौशीक सुनावणी घेवप म्हळ्यार वेळ, पयसो आनी शक्त फुकट घालोवप	जाप दिवंक ना.

e.	कोळसो हाताळणेक वास्कोच्या इतल्या लोकांचो विरोध कित्याक आसा? हाचो अध्यक्षांनी विचार करचो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	कंपनी करता तीं उदक फवारणी धुल्ल प्रदुशण उणें करपा खातीर न्हय, तर कोळश्याक लागून लागपी उजो पालोवपा खातीर आनी कोळश्याची ओलसाण राखपा खातीर.	विधान सारकें ना. राशिंतल्या कोळश्या भितर जेन्ना व्हडा प्रमाणांत सल्फर आसता आनी जेन्ना तो व्हड काळ सांठावन दवरतात, तेन्नाच ताका उजो लागूं येता. एस.डब्लू.पी.एल. टर्मिनलाचेर मुखलेपणान कोक आनी थर्मल कोलाची हाताळणी जाता, देखून ताका उजो तागपाची शक्यताय साप्प उणी आसा. तरी लेगीत, कोळसो टर्मिनलाचेर 10 दिसां परस चड तेंप उरना. ताका लागून पेट घेवपाची शक्यताय आनीकूय उणी जाता. देखून दक फवारणी उजो पालोवपा खातीर न्हय तर प्रदुशण उणावपा खातीर करतात.
g.	वास्को टायम बॉम्बाचेर बसलां आनी तें नाफ्था टांकयो आनी अमोनिया टांकयो तशेंच कोळश्याच्यो राशी हांणी घेरलां. जर खात्यांनी हे गजालीचेर कारवाय करूंक ना जाल्यार वास्कोचे लोक कोर्टांत वतले.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध नाशिल्ल्यान जाप दिवंक ना.
h.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
22. श्री. रुपेश शिंक्रे.		
a.	भारताच्या प्रधाण मंत्र्यांनी पॅरिस परिशदेंत 2015 वर्सा फुडाराच्या पिळग्यां खातीर जिवाश्म इंधन राखून दवरपा खातीर ताचो मर्यादीत वापर करतले अशी घोशणा केल्या.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
b.	प्रकल्प प्रस्तावकान जिवाश्म इंधनांचो वापर केल्ल्यान हवामानाचेर विपरीत परिणाम जातलो आनी ग्लोबल वॉर्मींग जातलें.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
c.	एके वटेन प्रधानमंत्री हो विचार करता जाल्यार दुसरे वटेन कंपनी मात कोळश्याची हाताळणी 400%नी वाडयता. हें प्रधानमंत्र्यांच्या धोरणा कडेन पुराय रितीन विपरीत आसा.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
d.	पॅरीस हांगा जाल्लें प्रधानमंत्र्यांचें उलोवप पळयलें जाल्यार गोंयांतलीं कोळसो हाताळणी फेडआवट करची पडटली.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
e.	हवामान अभ्यास आनी ग्लोबल वॉर्मींग हांचेर प.प्र.त. अहवालांत पुराय रितीन दुर्लक्ष केलां.	जाप दिवंक ना.

f.	हे तिनूय प्रकल्प एकूच प्रकल्प आसात. देखून तीन वेगळ्यो सुनावण्यो घेवपाची गरज नाशिल्ली. हें तांणी वॅपकॉसाच्या अहवालाच्या परिच्छेद 2.2 चो संदर्भ दिवन सांगलें.	प.प्र.त. भितर उल्लेख केल्ल्या प्रमाण (पाठ 2 अनुभाग 2.2) सद्याच्या हाताळणी यंत्रणेची कुशळटाय वाडोवन तशेंच वाहक पट्ट्याची गती आनी रेक परतुपाचो वेळ सुधारून क्षमताय वृद्धी वाडयतले. अशे तरेन वाडीव क्षमताय हो बरे आनी चड कुशळ हाताळणी पद्धतींचो परिपाक आसतलो. एम.पी.टी.न प्रस्तावीत केल्ल्या ड्रेजिंग प्रकल्पाचेर हो प्रकल्प अवलंबून ना पूण व्हडली जहाजां आयिल्ल्यान एस.डब्लू.पी.एल.क ताचो फायदोच जातलो.
g.	तीन सुनावण्यो घेवन राज्य सरकारान गोंयच्या लोकांची फटवण केल्या.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
h.	प्रस्तावीत प्रकल्प गोंयच्या भल्या खातीर न्हय तर कांय उद्देगांच्या फायद्या खातीर आसा.	जाप दिवंक ना.
i.	प्रस्तावीत प्रकल्प मान्य करचें पयलीं प्रतिबंधात्मक उपाय घेवपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
j.	प्रस्तावीत प्रकल्पाची गरज तपासपाचे नदरेन, गोंयच्या धारण क्षमतायेचो अभ्यास तशेतरेच्या उद्देगां खातीर सरकारान आतां मेरेन करूंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
k.	सर्वोच्च न्यायालयान 2000 सीसीच्या डिजेल इंजिनांचेर बंदी घातल्या. राष्ट्रीय राजधान्यांनी ट्रकांच्या प्रवेशांचेर बंदी घातल्या. तशेंच बी.एस.3 इंजिनां बी.एस.4 इंजिनांनी परिवर्तीत करपाचो निर्णय घेतला. हे निर्णय म्हणल्यार जिणेचो हक्क आनी पर्यावरण राखण हांचे खातीरचे आदर्श आसात. तांकां लागून कंपन्यांच्या फायद्या परस भौशीक भलायकी चड म्हत्वाची हाचेर भर दिला.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
l.	पर्यावरणाची राखण आनी जिणेचो हक्क हांचे खातीर प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक तांणी विरोध केलो.	विधान सारकें ना.
23. श्री. सेबेस्तियांव रोड्रिगीश, बिट्स पिलानी.		
a.	फाटलीं 125 वर्सां एम.पी.टी. गोंयची सेवा करता- हया विधानाक तांणी विरोध केलो. पुर्तुगेज तेंपार केल्ली सेवा गोंय राज्याची सेवा कशी जाता ?	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
b.	जे.एस.डब्ल्यू.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पांत गोंयच्या पर्यावरणाच्या कुस्ताचेर कर्नाटकाक कोळश्याची पुरवण जाता.	सद्याक अस्तित्वांत आशिल्ल्या पोर्ट तर्मिनलाचेंच आधुनिकीकरण म्हळ्यार हो प्रकल्प.
c.	गोंयच्या लोकांक हया प्रकल्पाचो कितें लाब आसा तें प.प्र.त. भितर कायच सांगूंक ना.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 4 अनुभाग 4.4, पान 4-17 मदीं आसपावला.

d.	तिनूय प्रकल्पां खातीर एकवटीत प.प्र.त. तयार करपाची गरज आसा. हाचें कारण पयलो प्रकल्प हेर दोन प्रकल्पां परस वेगळो ना.	प.प्र.त. अभ्यास प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण केलां. ही सुविधा अधिसुचीत बंदर क्षेत्रा भायर आसा, जंय साबार केंद्रांचेर भौ.ह.गु. स्तरांची तपासणी करतात. तांतूतल्यान प.प्र.त. अभ्यासाखातीर एकवटीत प्रभाव कळटा. प.प्र.त. भितर उल्लेख केल्ल्या प्रमाण (पाठ 2 अनुभाग 2.2) सद्याच्या हाताळणी यंत्रणेची कुशळटाय वाडोवन तशेंच वाहक पट्ट्याची गती आनी रेक परतुपाचो वेळ सुधारून क्षमताय वृद्धी वाडयतले. अशे तरेन वाडीव क्षमताय हो बरे आनी चड कुशळ हाताळणी पद्धतीनचो परिपाक आसतलो. एम.पी.टी.न प्रस्तावीत केल्ल्या ड्रेजिंग प्रकल्पाचेर हो प्रकल्प अवलंबून ना. पूण व्हडली जहाजां आयिल्ल्यान एस.डब्लू.पी.एल.क ताचो फायदोच जातलो.
e.	ई.सी. नासतना वा संबंदीत खात्यांची परवानगी नासतना एम.पी.टी.न ड्रेजिंग केलां.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
f.	सद्याच्या कोळसो हाताळणेक लागून जावपी प्रदुशण आळाबंदाक हाडूंक जे.एस.डब्ल्यू.क अपेस आयला. देखून विस्ताराक मान्यताय दिवपाक जायना.	1. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
g.	कांय उद्देजकांच्या फायद्या खातीर वास्कोच्या लोकांचें जिवीत धोक्यांत घालपाक जायना.	विधान सारकें ना.
h.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिली जाल्यार गॉय कोळसो येरादारीचें कोरिडोर जातलें.	जाप दिवंक ना.
i.	प.प्र.त. अहवालांत भूगर्भी उदक विश्लेशणा विशीं कांयच सांगिल्ले ना.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.11, पान 3-10 भितर आयलां.
j.	10 कि.मी. त्रिज्या वाठारांतल्या कितल्याश्यांच बाधीत गांवांक प.प्र.त. अहवाला भितर कांयच सुवात दिल्ली ना.	7. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
k.	मांडवी आनी झुवारी न्हंयानीं मिनाची येरादारी करपी बार्जी दर्यांत मदींच धुतात, ताका लागून उदकाचें प्रदुशण जाता.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
l.	कोळसो आनी मीन हांची येरादारी करतना दर्यांत सांडपाणी सोडपाचेर प्रदुशण नियंत्रण मंडळान कारवाय करपाची मागणीं केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
m.	कोळश्यांच्या राशींचेर फवारणी करपाक जें उदक वापरतले ताचो स्रोत निश्चीत करपाक जाय.	5. ई क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

n.	चीन देशांत जशें कांय वाठारांनी फाटलीं कितलिशींच वर्सां सुर्या दिश्टी पडना तशीं गोंयचीं पर्यावरणी स्थिती जाक्पाक फावना.	विधान प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.
o.	प्रदुशण नियंत्रण उपायाक खातीर जें उदक कवापरतले तार्चें प्रमाण निश्चीत करपाक जाय.	5. ई क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
p.	प.प्र.त. अहवालांतल्या पर्यावरणी वेवस्थापण येवजणेंच्या संदर्भात अस्तित्वांत नाशिल्ल्या गोवा मुनिसिपल कॉर्पोरेशनाक सांडपाणी हस्तांतरीत करपाचो संदर्भ तांणी दिलो.	ही एक नदर चुकीन जाल्ली चूक आसा. अंतीम प.प्र.त. भितर ती 'मुरगांव नगर पालिका' अशें सुधारतले.
q.	ऑयल गळटी आडावपा संबंदांत कसलेच उपाय सुचयल्ले नात.	सद्याक ऑयल कार्गोची हाताळणी जायना. क्षमताय वृद्धी भितर ती प्रस्तावीत लेगीत ना. एस.डब्लू.पी.एल.चो उदकांतल्या उपक्रमाकडेन संबंद ना. बंदराची देखभाल ही पोर्ट ट्रस्ताची जापसालकी. देखून ऑयल गळटी ही एस.डब्लू.पी.एल.ची जापसालकी जायना.
r.	आतां मेरेन उपस्थित केल्ल्या मुद्यांच्या आधारान प्रकल्पाक विरोध उक्तायलो.	जाप दिवंक ना.
24. श्रीमती डॉल्वीन ब्रागांझा, माजोड्डें.		
a.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून थळाव्या वाठाराची जैव विविधताय नश्ट जातली आनी कोल्या भशेन सामान्य प्राणी लेगीत दिश्टी पडचो ना.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 भितर आसपावला. हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना.
b.	तांणी ह्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक आपलो खर विरोध उक्तायला.	जाप दिवंक ना.
25. ॲड. फा. मायकल फेर्नांडीस, वास्को.		
a.	बाधीत लोकांक प.प्र.त. अहवालाची प्रत धरून हेर सगळे दुकुमेंत दिवप हें प्रकल्प प्रस्तावकाचें कर्तव्य आशिल्लें.	7. क आनी 7. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	हे बाबतींतल्या अपेसाक लागून ही भौशीक सुनावणी रद्दबादल थारता.	7. क आनी 7. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	कोळसो हाताळणेक लागून वास्को शारांत खर हवा प्रदुशण जालां.	विधान सारकें ना आनी प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	कोळसो हाताळणेक लागून जावपी प्रदुशणा खातीर लोकांचे भलायकेचेर जावपी परिणाम तपासपा खातीर कसलेच यत्न केल्ले नात.	4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	राजकारणी लोकांच्या पुराय तेंक्या सयत नियोजन शुन्य उद्देगीक उपक्रमांक लागून कांय अर्थीक नदरेन सशक्त मनीस व्हडा प्रमाणाचेर प्रदुशण करतात.	विधान सारकें ना.

f.	लोकांचे हीत लक्षांत घेतिल्लें ना. दरेका प्रकल्पाचें वेगळो वेगळो न्हय तर तिनूय प्रकल्पांचो एकवटीत परिणाम मतींत घेवंक जाय. वास्को शारांत कोळसो हाताळणेक लागून जावपी प्रदुशण उणें करपाक प्रदुशण नियंत्रण मंडळ कसली कारवाय करता ? प्रकल्प प्रस्तावकाक लागून थळाव्या लोकांचे भलायकेचेर जावपी परिणाम तपासपा खातीर कसलींच पावलां उबारिल्लीं नात वा ते विशीं अभ्यास केल्लो ना.	23. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची. विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	प्रकल्प प्रस्तावकाक लागून थळाव्या लोकांचे भलायकेचेर जावपी परिणाम तपासपा खातीर कसलींच पावलां उबारिल्लीं नात वा ते विशीं अभ्यास केल्लो ना.	4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
h.	प्रस्तावीत उपक्रमाक लागून समुद्री पर्यावरण आनी परिस्थितिकीचेर विपरीत परिणाम जातलो.	विधान सारकें ना.
i.	जे.एस.डब्ल्यू.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून वास्कोंतल्या इंडियन ऑयलीच्या टांकयांक धोको निर्माण जालां. ताचो अहवालांत उल्लेख केल्लो ना.	15. थ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
26. श्री. अभिजीत साळकार, वास्को.		
a.	तांणी प.प्र.त. अहवालाच्या पाठ 8 (8.4.2.) चो संदर्भ दिलो. प्रकल्प सुरू जातकीच बांदकाम सुवाते लागीं फकत तीन भों.ह.गु. तपासणेचीं केंद्रां प्रस्तावीत आसात. तीं उण्यांत उणीं बारा आसूंक जाय आनी बांदकामां वेळार तपासणी करूंक जाय, म्हूण तांणी विरोध केलो.	'बांदकाम' हें उतर चुकून आयलां. अतीम प.प्र.त. भितर तें 'कार्यान्वयन' अशें सुधारून घेतलें. कार्यान्वयन वाठारा लागी तीन केंद्रां वरवी तपासणी करतले. जाका लागून थंयचो प्रभाव निश्चीतपणान कळटलो. तरी लेगीत हे विशीं आमी गों.रा.प्र.नि.मं. चो आदेश मानतले.
b.	भो.ह.गु. ची तपासणी प्र.नि.मं.न करपाक तांणी विरोध केलो. ती तपासणी बि.स.सं. न करूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	प.प्र.त अहवालांत तरतूद केल्ले प्रमाण बारा लाखा परस चड निधी तपासणे खातीर उपलब्ध करूंक दिवंक जाय.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 8 अनुभाग 8.4.2, पान 8-14 भितर आयलां. अतिरिक्त तरतूद गरजे प्रमाण करतले.
d.	भो.ह.गु.ची केंद्रां खंय आसतली ते विशीं निश्चीत मार्गदर्शक सुचोवण्यो आसात. देखून तीन तपासणी केंद्रांक तांणी विरोध केलो.	26. क क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	जर भो.ह.गु.ची तपासणी चुकली जाल्यार प्र.प्र.चेर गुन्यांवकारी कारवाय जावंक जाय.	जाप दिवंक ना.
27. श्री. उद्धव पोळ, हेडलँड, सडा.		

a.	एम.पी.टी. सद्याक धुल्लमय कोळशो हाताळटात आनी देखून एम.पी.टी.क तुतीकुरी बंदराचेर मन्नाय केल्या आनी गोंय सोडून हेर खंयच्याच बंदराचेर तांकां मान्यताय ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
b.	एम.पी.टी. बंदरा वयल्या कोळश्याच्या राशींची उंची उणीं आसा जाल्यार कन्वेयर पट्ट्यांचीं गती वारो आडावपी वंटी परस चड आशिल्ल्यान त्यो निरुपेगी थारतात.	I डी. आनी I एफ दिल्ली जाप पळोवची.
c.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक खर विरोध केलो. आनी एम.पी.टी.च्या कोळसो हाताळणेचेर पुराय बंदी हाडपाची मागणी केली.	जाप दिवंक ना.
	28. श्री. रुइ कोश्ता आरावजो, चिखली.	
a.	कोळसो हाताळणी उपक्रमाक लागून साबार जलाशयांनी कोळसो उडयतात. हाका लागून विंडो-पॅन ऑयस्टर (कालवां) खातीर फामाद आशिल्ले चिखली खाडीचें प्रदुशण जाता.	1. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची. 15 ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची. ----
b.	प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या विस्ताराक लागून चिखली खाडीचें प्रदुशण जाता.	1. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची. 15 ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	प.रा.मं.च्या मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें उल्लंघन केल्ले खातीर आनी प.प्र.त. अधिसुचोवणेक पाळो दिवंक ना म्हूण हो प.प्र.त. अहवाल भायर मारचो पडटलो.	हो प.प्र.त. अभ्यास प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण केला.
d.	बॅन्थीक जिवावळी संबंदान चुकिची म्हायती अहवालांत आसा.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ तीन अनुभाग 3.17.8 पान क्र. 3-55 हातूंत आसपावला.
e.	चिखली खाडी परिस्थितिकी नदरेन संवेदनशील वाठार आसा. पूण ताचो प.प्र.त. अहवालांत उल्लेक करूंक ना.	ही एक सद्या चालू आशिल्ली सुविधा आसा. चिखली खाडीचे संवेदनशीलतायेचो अभ्यास केला, तो अंतीम प.प्र.त.न आसपावून घेतले.
f.	ग्रांद आयलँडा लागीं कोरल्स मेळटात ताचो उल्लेख अहवालांत ना. प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून कोळसो हाताळणी वाडिल्ल्यान पर्यावरणाचेर गंभीर परिणाम जातले, देखून प्रकल्पाक विरोध केलो.	ही नोंद सारकी ना. ग्रांड आयलँड हांगा पोवळीं मेळटात हाचो उल्लेख प.प्र.त. भितर केला. (पाठ 3 अनुभाग 3.17.10 पान क्र. 3.61) पूण ग्रांड आयलँड प्रस्तावीत प्रकल्पा कडल्यान उदका मार्गान सुमार 10 कि.मी.चेर पडटा. देखून ताचेर कसलोय प्रभाव जावपाक तो खूब पयस आसा.
g.	सद्याच्या प्रकल्पाक लागून जावपी हवा प्रदुशणाची मोलावणी करूंक प.प्र.त. अहवाल अपेशी थारला.	1. ए. क च्यो साबार उप-जापो आनी 1. घ क दिल्ल्यो जापो पळोवच्यो.
h.	प.प्र.त. अहवालाक आनी प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो. हो प.प्र.त. अहवाल रद्द करचो आनी तिनूय प्रकल्पांचो एकवटीत प.प्र.त. अहवाल तयार करून सादर करचो.	23. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

	29. श्री. संजय रेडकार, वास्को.	
a.	प्रकल्प प्रस्ताक्काच्या हया प्रकल्पा विशीच्या फॉर्म । चो संदर्भ दिलो.	प.प्र.त प्रक्रियेच्या सुरवेच्या पांवड्यार प.रा.ह.ब. मंत्रालया कडल्यान सं.सं. मेळटकीच फॉर्म । सादर केला. प.प्र.त. भितर कसलीच सुधारीत/अद्यावत माहिती आसल्यार प्रकल्पाचे घटक आनी वळख बदली नासतना ती घालतले.
b.	प.प्र.त. अहवाल फॉर्म । च्या विसंगत आसा.	प.प्र.त प्रक्रियेच्या सुरवेच्या पांवड्यार प.रा.ह.ब. मंत्रालया कडल्यान सं.सं. मेळटकीच फॉर्म । सादर केला. प.प्र.त. भितर कसलीच सुधारीत/अद्यावत माहिती आसल्यार प्रकल्पाचे घटक आनी वळख बदली नासतना ती घालतले.
c.	फॉर्म । च्या अ.क्र. 10 भितर वास्को शार 4 कि.मी. आसा अशें म्हणला, प्रत्यक्षांत तें 3 कि.मी. आसा.	फॉर्म । भितर प्रकल्प सुवातेकडले दिल्ले अंतर अदमाशी आसा निश्चीत ना.
d.	हया प्रकल्पा कडेन ड्रेजिंगाचो संबंद आसा. पूण अ.क्र. 17 भितर ना अशें म्हणला.	एम.पी.टी. प्रस्तावीत केल्ल्या ड्रेजिंगाचेर हो प्रकल्प अवलंबून ना.
e.	अ.क्र. 11 भितर ड्रेजिंग करचे नात म्हणला. पूण प.प्र.त. भितर खोलाय 14 मि. वयल्यान 19.8 मि. वाडयतले अशें म्हणला. एम.पी.टी. 60% ड्रेजिंग केला अशेंय म्हणलां.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	कोळसो प्रदुशणाचो मनशाचेर जावपी परिणाम अभ्यासूंक ना.	1. ए. क दिल्ली जाप पळोवची, बिंदू 2 आनी 1. घ.
g.	अ.क्र. 3.2 भितर प्रस्तावीत प्रकल्पाचो मनशाचे जिविताचेर कांयच परिणाम जावचो ना अशें म्हणलां, ताका विरोध केला.	1. ए. क दिल्ली जाप पळोवची, बिंदू 2 आनी 1. घ.
h.	फॉर्म । भितर पर्यावरणी संवेदनशील वाठार आनी अधिक्षेत्रांचेर प्रकल्पाचो कांयच परिणाम जावचो ना (अ.क्र. 3.1) अशें म्हणलां, ताका विरोध केला.	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना. आधुनिकीकरणा भितर फकत परिणामकारक एकात्मीक आनी कुशळ ए.पी.सी.एम. बसयतले. पर्यावरण संवेदनशील वाठारांचेर खंयचोच चडावत विपरीत परिणाम जावचो ना.
i.	दुर्येत लोक, भुरगीं, जाण्टी आदी अशक्त लोकांचेर हया प्रकल्पाचो कांयच परिणाम जावचो ना. अशें म्हणलां (अ.क्र. 3.4) ताका विरोध केलो.	29. ज क दिल्ली जाप पळोवची
j.	वयले चडशे मुद्दे फटीचें आशिल्ल्यान प्रकल्प प्रस्तावकान बरोवन दिल्ल्या प्रमाण हो प.प्र.त. अहवाल भायर मारपाक जाय.	जुस्ताजुस्त आनी प्रकल्प-विशिश्ट व्याप्ती, प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो अतिरिक्त सं.सं., क्षेत्र-विशिश्ट प.प्र.त. मार्गदर्शक पुस्तिका आनी क्षेत्र-विशिश्ट सं.सं. हांचेर आदारून हो प.प्र.त. अहवाल तयार केला.

k.	फॉर्म । भितर चुकीची म्हायती दिल्ल्यान हया प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.	29. ज क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
l.	वास्को-द-गामा शारांत आनी ताचे भोंवतणी 1 लाखा परस चड लोक रावतात आनी हवा प्रदुशणाक लागून तांचे भलायकेचेर थेट परिणाम जाता.	1.क आनी 1. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
m.	वास्को नगर पालिकेंत 4 जानेवारी, 2016 दिसाचे एके खाशेले बसकेंत भलायकेच्या धोक्याक लागून वास्को शारांत कोळसो येरादारीकरपाक बंदी घातली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
n.	जांचे खातीर तीन भौशीक सुनावण्यो जातात ते तिनूय प्रकल्प एकामेकाक जोडिल्ले आसा. चॅनल खोल करप ही तिनूय प्रकल्पांची सामायीक गरज आसा. आनी सगळ्यांक चॅनलाची खोलाय 14 मी. वयल्यान 19.8 मी. मेरेन व्हरपाक जाय.	29. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
o.	कोळसो हाताळणी क्षमताय वाड करपाच्या प्रकल्पाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
p.	फॉर्म । च्या अ.क्र. 7 भितर संरक्षण आस्थापनांचो उल्लेख ना. प्रत्यक्षांत 15 कि.मी. त्रीज्या वाठारांत संरक्षण आस्थापनां आसात आनी सगळ्यांत लागी 1-2 कि.मी. भितर लेगीत आसा.	29. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
q.	फॉर्म । च्या अ.क्र. 8 भितर हॉस्पिटलां, शाळा, प्रार्थना घरां, समाजीक सुविधा ना अशें म्हणलां. पूण प्रत्यक्षांत 15 कि.मी. त्रिज्या वाठारांत आनी 200-300 मी. वाठारा भितर लेगीत तश्यो सुवातो आसात.	29. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
r.	5 तली 4 तपासणी केंद्रां प्रकल्प थळा पासून 50 - 100 मी.चेर आसात. पूण वारें व्हांवता त्या वास्को शारांत एक लेगीत केंद्र ना.	1. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
s.	प.प्र.त. अहवाल फॉर्म । भितरल्या विसंगतींक लागून भायर मारपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
t.	प.प्र.त अहवालांत लोक संख्येची दाटाय ना अशें म्हणलां.	हो प्रकल्प एक चालू आशिल्लोच प्रकल्प आसा. फकत आधुनिकीकरण आनी पोन्नी यंत्रां बदलप हांचो आधुनिकीकरणान आसपाव जातलो.
u.	पूण प्रत्यक्षांत प्रकल्प थळा भोंवतनी दाटायेन लोक संख्या आसा. देखून प्र.प्र.न फटीचें विधान केलां.	जाप दिवंक ना.
v.	तांणी प्रकल्पाक विरोध केलो.	जाव दिवंक ना.
	30. श्री. पीटर आंद्राद, वास्को :	

a.	प.प्र.त. अहवालांत गों.रा.प्र.नि. मंडळान केल्ले भों.ह.गु. तपासणेचे निश्कर्श आस्पाक्लिल्ले नात. प.प्र.त. अहवालांत नमूद केल्ले भों.ह.गु. चें अहवाल दोशपूर्ण आसात आनी हवा प्रदुशाणाची परिणामकारकतायेन नोंद करपी केंद्राचेर ते घेतिल्ले नात.	1. ए. क दिल्ल्यो साबार जापो पळोवच्यो.
b.	प्रस्तावीत प्रकल्पा भोंवतणी/लागी नुस्तेंमारी चलना - हें कंपनीचें विधान चुकीचें आसा. खारीवाडो जेटी वयलीं नुस्तेमारी जहाजां आनी थंयचो वेवसाय हांचें प्रमाण अहवालांत आस्पाविल्लें ना.	नोंद सारकीं ना. हें बंदर आय.एस.पी.एस. पुर्तताय करपी आशिल्ल्यान चॅनला लागी सुरक्षेच्या करणाक लागून नुस्तेमारी बंदी आसा.
c.	प्रस्तावीत प्रकल्पा लागी कासयेचीं उपज-केंद्रां नात ह्या प.प्र.त. अहवालांतल्या विधानाक तांणी विरोध केलो. कासयो बायणा दर्यादेगेचेर तांतीं घालतात हाचे पुरावे आसात. चुकीचे तरेन अभ्यास केला.	नोंद सारकीं ना. क्वचीत तांतयां घालपाच्या घडणुकांक कासवाचीं प्रजनन सुवात अशें म्हणू येना.
d.	वास्कोंत आनी भोंवतणेच्या वाठारांनी कोळसो उद्देगाक लागून प्रदुशण आसा हें सत्य कोणूय न्हयकारूंक शकना.	1. ए. आनी 1. घ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	प्रकल्प प्रस्तावकान भेटयल्लो पुराय प.प्र.त. अहवाल रद्द करचो आनी पुराय कोळसो हाताळणी बंद करची.	जाप दिवंक ना.
	31. श्री. परशुराम शेट्ये, वास्को :	
a.	तीनूय प्रकल्प एकूच आसात, पूण तीन दीस भौशीक सुनावण्यो दवरल्यात. हें वास्कोच्या लोकांक छळूंकआनी त्रास दिवंक मुद्दाम केलां.	नोंद सारकी ना. ह्या प्रकल्पा खातीर प.रा.ह.ब.मं. कडल्यान स्वतंत्र सं.सं. मेळयल्यात. तशेंच 22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	वास्कोंतल्या लोकांचे भलायकेचेर कोळसो हाताळणेक लागून जावपी परिणामाचो अभ्यास वा सर्वेक्षण केल्लें ना.	1. ए. आनी 4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	वास्कोंतल्या कोळसो प्रदुशणा विशीं गों.रा.प्र.नि. मंडळा कडेन साबार कागाळी पावून लेगीत तांणी कारवाय करूंक ना वा करूंक कळाव केला आनी प्रदुशण चालू दवरलां. कोळसो हाताळणेंतले वाडी उपरांत प्रदुशण नियंत्रणांत दवरप प्रदुशण मंडळाक शक्य जावचेंना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	वास्कोंतल्या लोकांक कोळसो कंपन्या कडल्यान भेटी-भोंवाऱ्यो आनी दुडू नाकात, तांकां कोळसो कंपन्यो बंद पडिल्लो जाय.	जाप दिवंक ना.
e.	प्र.प्र.क परवानगी दिवपाक तांणी खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	32. श्री. आवेर्तान मिरांदा, पणजी :	

a.	प्रकल्पाक तेंकों दिवपी एक लेगीत व्यक्ती भौशीक सुनावणेंक ना. प्रत्येक जाण प्रकल्पाक खर विरोध करता.	जाप दिवंक ना.
b.	वास्कोंतल्या संरक्षण आस्थापनांक हया प्रकल्पाक लागून धोको निर्माण जातलो.	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना. आधुनिकीकरणा भितर फकत परिणामकारक एकात्मीक आनी कुशळ ए.पी.सी.एम. बसयतले. पर्यावरण संवेदनशील वाठारांचेर खंयचोच चडावत विपरीत परिणाम जावचो ना. प्रकल्पांत रस्तो येरादारीचो आसपाव ना.
c.	फुडल्या दोन भौशीक सुनावण्यांनी वांटो घेवपी लोकांक पिवपाच्या उदकाची पुरवण करपाची विनवणी केली.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
d.	प्र.प्र.क परवानगी दिवपाक तांणी कर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	33. सुरेश बर्वे, वाडें, वास्को :	
a.	लोकांनी विचारिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांक अध्यक्ष वा कंपनीचे प्रतिनिधी जापो दिनात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	लोकांनी विचारिल्ले सगळे प्रस्न आनी हरकतींची नोंद घेवन प्रकल्प प्रस्तावकाक मंजुरी दिवची काय ना, हें थारावपा खातीर ते प.रा. मंत्रालयाक धाडटले, अशी माहिती अध्यक्षांनी दिली.	-
c.	चिखली पंचायतीन ताका प.प्र.त. अहवाल आनी सारांश अहवलाची प्रत दिवंक ना, अशें सांगून चिखली पंचायतीच्या सचिवाचेर कारवाय करपाची मागणी तार्णे केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	प.प्र.त. अहवालाची प्रत थळाव्या स्वराज्य संस्थांक थळावे भाशेंत, कोंकणी/मराठी दिवंक नाशिल्ली.	7. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	ग्रामपंचायतीचे सचिव श्री. नारायण आजगांवकार हांणी आपल्याक प.प्र.त. अहवालाची प्रत दिवपाक न्हयकार दिलो. सेक्रेटरीन ताचो छळ केलो. ताचेर कारवाय करपाची मागणी.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	34. श्री. परशुराम सोनुर्लेकार :	
a.	ध्वनी-प्रदुशण तपासणेची पद्दत प.प्र.त. अहवालांत दिवंक ना.	नोंद सारकी ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.16, पान क्र. 3-26 भितर आसपावला. धव्नी प्रदुशणाचें स्तर वेटेड सावंड प्रेशर लेवल मिटर वापरून 7 केंद्रां वेल्यान मेजला.

b.	अदानी आनी जिंदाल हांचे उद्देग रातींचेच चलतात. हे उद्देग रात्चे चलोवपाक तांकां सरकार वा प्रदुशण मंडळान कसली खाशेली परवानगी बी दिल्या ?	हें बंदर 24 वरां चलपी बंदर आसा.
c.	एन.जी.टी.न अदानी आनी जिंदालाक तांच्या प्रकल्पा भोंवतणी हरीत-पट्टो निर्माण करपाचो आदेश दिल्लो, तो तांणी आजून लेगीत पाळूंक ना.	हरिपट्टो विकासा संबंदान जिंदाल ग्रुपाचो वांटो आशिल्ली एस.डब्लू.पी.एल. कंपनी सकयल्यो गजाली दाखोवंक सोदता: 1. सुमार 1400 मी.^{2} सुवातेंत 700 झाडां प्रकल्प सुवाते भितर रोयल्यात. 2. हरिपट्ट्याची गरज पुराय प्रकल्प सुवाते खातीर सोदून काडल्या. ताची विभागणी करप जायते फावटी शक्य जायना. तरी लेगीत पुराय वाठार पांचवोचार करपा खातीर आनी धुल्लधुंवर स्राव आडावपा खातीर यत्न करतले.
d.	वृक्षलागवड केल्या काय म्हूण तांणी प्रस्न विचारलो.	34. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	सद्याच्या प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाक तांणी खर विरोध परगटायलो.	जाप दिवंक ना.
	35. अभिजीत प्रभूदेसाय, वास्को :	
a.	ओल्ड क्रॉस नुस्तेमारी समाजान दाखल केल्ले क्र. 10/2016 चे केशीचेर एन.जी.टीन दिल्ल्या निकालाचो संदर्भ दिलो.	जाप दिवंक ना.
b.	एन.जी.टी.न कार्गो हाताळपाचे प्रक्रिये बगर कॅपिटल ड्रेजींग करप शक्य जातलें वा ना हाची खात्री करपाक प.रा.मं.क निर्देश दिल्ल्याचें सांगलें.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना. एम.पी.टी.न प्रस्तावीत केल्ल्या ड्रेजिंग प्रकल्पाचेर हो प्रकल्प अवलंबून ना. त्या भायर 22 एफ.क दिल्ली जाप पळोवची.
c.	वयल्या गजालींची पुर्तताय केले बगर भौशीक सुनावणी घडोवन हाडप शक्य ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
d.	फॉर्म I प.रा.मं.चे वेबसायटीचेर तशेंच हेर खंयचेच माचयेर उपलब्ध करूंकनाशिल्ले.हें प.रा.मं.च्या मार्गदर्शक सिध्दांतांचें उल्लंघन अशें म्हणूं येता.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	तांच्या विधाना प्रमाण प्रकल्प प्रस्तावक वा सल्लागारान प.प्र.त. अहवाल तयार करतना प.रा.मं.मार्गदर्शक पुस्तिका तयार करूंक ना.	वॅप्कोस ही भारत सरकाराचो उपक्रम आशिल्ली, एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा. ती प.रा.ह.ब. मंत्रालयान मान्यताय दिल्ली, साबार तरेच्या प्रकल्पांचो अणभव आशिल्ली कंपनी आसा. प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो सं.सं. आनी मानक नियमावली आनी मार्गदर्शिके प्रमाण प.प्र.त. भोवच बारीकसाणेन तयार केला.

f.	गरजेचें पुर्तताय विधान तयार करूंक ना आनी देखून इ.ए.सी. न संदर्भ संहिता दिवंक जाय नाशिल्ली.	सुधारी सं.सं. प्रमाण प.रा.ह.ब.मं. बेंगलोर प्रा.का. हांका प्रमाणांकीत पुर्तताय अहवाल मेळोवपा खातीर अर्ज केलां.
g.	रेल्वेचे धांवपट्टेचें दुपदरीकरण करपाच्या मुद्याचेर सुचयल्ले प्रमाण रान आनी वनजीव विभागांची मान्यताय घेवप गरजेचें आशिल्लें, पूण हाची नोंद फॉर्म I त मेळना.	प्रकल्प प्रस्तावकान रेल्वेच्या दुपेटीकरणाचो खंयचोय प्रस्ताव दवरिल्लो ना. सद्याच्या प्रस्तावीत पुर्तताय करपाक सद्या उपलब्ध आशिल्ल्या ट्रॅकांची उर्वरीत क्षमताय फावो तितली आसा देखून ही सुविधा ट्रॅकांच्या दुपेटीकरणा सावन स्वतंत्र आसा. देखून वन्यजीव आनी रान खात्याची परवानग्गी घेवपाची गरज ना.
h.	तांच्या विधाना प्रमाण, प्रकल्प प्रस्तावकान नकाशे आनी मजकूर प.प्र.त. अहवालांत दिवपाची गरज आशिल्ली, जे दिल्ले नात.	प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो सं.सं. आनी मानक नियमावली आनी मार्गदर्शिके प्रमाण प.प्र.त. भोवच बारीकसाणेन तयार केला.
i.	प.प्र.त. मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें स्पश्टपणान उल्लंघन केलां.	विधान सारकें ना.
j.	मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण अहवालांत अस्तित्वांत आशिल्लो पर्याय दिवपाक जाय आशिल्लो. बंदरांच्या रुपान पर्यायी साधनसुविधा पुर्वी दर्यादेगेर आसा. प.प्र.त. अहवाल ह्या मुद्यांचेर मौन आसा.	निरिक्षण सारकें ना. प्रकल्प प्रस्तावकान रेल्वेच्या दुपेटीकरणाचो खंयचोय प्रस्ताव दवरिल्लो ना. सद्याच्या प्रस्तावीत पुर्तताय करपाक सद्या उपलब्ध आशिल्ल्या ट्रॅकांची उर्वरीत क्षमताय फावो तितली आसा देखून ही सुविधा ट्रॅकांच्या दुपेटीकरणा सावन स्वतंत्र आसा.
k.	प.प्र.त.अहवालांत दोन दिसांच्या समुद्री जिवनशास्त्रा अभ्यास सोडल्यार मुळावे माहितीचें संकलन जावंक ना.	2004 सावन हो पोर्ट चालू आसा. ग्रीन फिल्ड प्रोजेक्टा खातीर पर्यायी सुवाती सोदच्यो पडटात.
l.	मार्गदर्शक पुस्तिकेंत जमनीची मुळाधार माहिती आनी लोकसंख्ये संबंदीची माहिती अहवालाचो भाग आसपाची गरज आशिल्ली. तरी लेगीत प.प्र.त.चो अहवाल ह्या विशयाचेर दुर्लक्ष करता.	निरिक्षण सारकें ना. प.प्र.त. अहवालान पाठ 3 भितर मुळावें सर्वेक्षण घडोवन हाडून अनुभाग 3.15, पान क्र. 3-17 हांतूत भों.ह.गु. सर्वेक्षण केलां. धव्नी प्रदुशणाची माहिती लेगीत एकठांय केल्या.
m.	आकृताय नकाशे आनी स्थलवर्णन माहिती अहवालांत आसप गरजेचें आसून लेगीत ती अहवालांत ना.	विधान सारकें ना. 20. ख क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
n.	प.प्र.त.च्या अहवालांत भूंयगर्भी तपशील दिल्ले ना.	हो प.प्र.त. अहवाल प्रकल्पा कडेन संबंदीत व्याप्तीचेर आदारून तयार केला. टर्मिनलाच्या रचनेंत कांयच बदल जावचो ना. देखून प.प्र.त. अभ्यासांत कंटूर नकाशे आनी भूंयथळी सर्वेक्षण हांचो आसपाव करूंक ना.
o.	उत्खनन केल्ले जमनीच्या धा मिटर पोंदच्या मातयेचे भूंयतंत्रीक गुणधर्म अभ्याशिल्ले नात.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागून ह्या थळाच्या वा भोंवतणेच्या वाठाराचे भूगर्भी स्थितीचेर कांयच परिणाम जावचो ना. देखून प.प्र.त. भितर भूगर्भी तपशील दिवंक ना.
p.	सोद वाठारांतल्या उदकाच्या दर्जाचो विचार जावंक ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तवाका कडेन संबद्ध ना.

i.	कोळश्यांच्या ट्रकांक लागून सड्यार व्हड येंरादारी-धोको निर्माण जाला.	35. ञ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
j.	केंद्र सराकाराचे वृत्तीक लागून, एक दीस गौंयकार भारता कडल्यान स्वातंत्र्य मागतले.	जाप दिवंक ना.
k.	सरकार चोर आसा आनी मुरगांवच्या लोकांक न्याय मेळूंक ना.	जाप दिवंक ना.
l.	3 दीस सेगीत भौशीक सुनावणी घेतिल्ले खातीर विरोध परगटायलो.	जाप दिवंक ना.
m.	मुरगांवच्या आमदारान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन हातमेळवणी केल्या.	जाप दिवंक ना.
n.	प्रदुशीत कार्गो उपक्रमा कडेन सरकारान संबंद दवरूंक जायना.	जाप दिवंक ना.
o.	प्र.प्र.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक परवानगी मंजूर करून केंद्र सरकारान मुरगांवच्या लोकांक त्रास दिवपाक जायना.	जाप दिवंक ना.
p.	कोळसो प्रदुशणाक लागून वीर्य-प्रमाणांत घट जाल्या.	जाप दिवंक ना.
q.	बायणा आनी खारीवाड्या वयल्या लोकांक भायर काडिल्ले तेन्ना भौशीक सुनावणी कित्याक जावंक नाशिल्ली?	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
r.	प्रकल्पाक मान्यताय दिली जाल्यार जावपी वाडीव कोळसो हाताळणेक लागून जी रस्त्या वयली ट्रकांची येरादारी वाडटली, ती वास्को आनी सडो हांगाच्या रस्त्यांक पेलचीना.	35 j क दिल्ली जाप पळोवची.
s.	सरकारान वास्कोंतल्या लोकांचे प्रस्न समजुचे आनी लोकांक आंदोलन करूंक फोर्सार करचे न्हय.	जाप दिवंक ना.
t.	अमोनिया टांकयांचो धोको सरकारान विचारांत घेवचो.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
u.	सगळ्या लोकांनी प्रकल्पाक विरोध केल्लो आसून लेगीत, प्रकल्पाक मान्यताय मेळटली, हाची आपणाक जाणविकाय आसा.	जाप दिवंक ना.
v.	3 प्रकल्पांक मान्याताय दिली जाल्यार सेगीत आंदोलन जातलें.	जाप दिवंक ना.
w.	भौशीक सुनावणेक येवपी लोकांक सरकारान पैशे दिवचे.	जाप दिवंक ना.
x.	प्रस्तावीत तिनूय प्रकल्प गुठलावचे, अदानी आनी जिंदालाक वास्कोंतल्यान भायर काडचे आनी एम.पी.टी.न नितळ कार्गो हाताळचो.	जाप दिवंक ना.
y.	वास्कोंतल्या कोळसो समस्ये खातीर थळाव्या	जाप दिवंक ना.

q.	मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण थरावीक खोलायेचेर उदकाचे नमुने काडपाचें काम प.प्र.त.अहवालांत करूंक ना.	विधान सारकें ना.
r.	प.प्र.त.अहवालांत जाल्लो क्षेत्र अभ्यास खंयचेच शास्त्रीय धर्तरेचेर जाल्लो ना.	विधान सारकें ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.2, पान क्र. 3-36 भितर दिलां. हांतूत समुद्री उदकाचें भूस्तरी आनी तळाकडले स्तर मांडलें.
s.	प्रस्तावीत प्रकल्पा भोंवतणेच्या वाठारांतल्यो वसाहती, शाळा, रुग्णांलयां आनी हेर आस्थापनांचो अभ्यास जावंक ना.	विधान सारकें ना.
t.	संबद्ध समाजीक आनी अर्थीकमाहिती प.प्र.त.अहवालांत आसपाविल्ली ना आनी उपलब्द आशिल्ली माहिती 2011 जनगणनेंतली आसा.	विधान सारकें ना. हो भाग पाठ 3 अनुभाग 3.18, पान क्र. 3-63 मदीं आसपावला.
u.	प्रस्तावीत प्रकल्पा भोंवतणेच्या वाठारांतल्यो वसाहती, शाळा, रुग्णांलयां आनी हेर आस्थापनांचो अभ्यास जावंक ना.	विधान सारकें ना.
v.	संबद्ध समाजीक आनी अर्थीक माहिती प.प्र.त. अहवालांत आसपाविल्ली ना आनी उपलब्द आशिल्ली माहिती 201। जनगणनेंतली आसा.	20. ख क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
w.	प्रकल्पाचे लागीं आशिल्ले रस्ते आनी रेल्वे पट्ट्यांची नोंद घेतिल्ली ना	विधान अस्पश्ट
x.	ह्या प्रकल्पाक लागून दाबोळे विमानतळाच्या वेव्हाराचेर परिणाम जातलो	3. ग क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
y.	ह्या प्रकल्पाचो नुस्तेकार आनी दर्यांतल्या पर्यावरणाचेर जावपी प्रभावाच्या परिणामांचें मुल्यांकन अहवालांत पळोवंक मेळना.	विधान सारकें ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 4 अनुभाग 4.3.2., पान क्र.4-12. आनी अनुभाग 4.4, पान क्र. 4-17 हांतूत आयलां.
z.	खर्च आनी फायद्याचें मुल्यांकन जावंक ना.	जर प.रा.ह.ब.मं. प.प्र.त. अधिसुचोवणी, 2006 (बदल) परिशिश्ट III, अनु.क्र. 9 प्रमाण अतिरिक्त सं.सं. जारी केलें जाल्यारूच खर्चाचो तपशील दिवपाचो आसता.
aa.	फॉर्म I चुकीची माहिती दिवन भरलां.	विधान सारकें ना.
bb.	हया प्रकल्पाचे सुवातेच्या धनीपणाचो मुद्दो उच्च न्यायालयांत आसा तरी आसताना फॉर्म । त कसलीच कायदेशीर समस्या ना, अशी नोंद केल्ली आसा.	ही जमीन एम.पी.टी. कडल्यान भाडेपट्टीचेर घेतिल्ली आसा. आमच्यो कसल्योच केसी चालू ना.
cc.	फॉर्म I त नोंद केल्ले प्रमाण भूंय उत्खननाची गरज ना, पूण एम.पी.टी.न उत्खनन पयलींच केलां.	जाप प्रकल्पाकडेन संबद्ध ना. ह्या प्रकल्पाचो भाग म्हूण ड्रेजिंग प्रस्तावीत ना.
dd.	तांच्या विधान प्रमाण कोळसो हाताळपाची तांक	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर

	वाड्यतले जाल्यार आमकां सुधारीत आनी विस्तारीतसाधनांची गरज पडटली.	फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना.
ee.	कोळसो हाताळणेचो प्रभाव सरळ स्वासा संबंदीच्या दुयेंसां कडेन जोडूं येता. पूण प्रकल्प प्रस्तावकान फॉर्म I त हो मुद्दो न्हयकारला.	1. ग, 4. क आनी 7. क क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ff.	प्रकल्प प्रस्तावकान हया प्रकल्पाचो मनश्यांच्या जिवन शैलीचेर कसलेच प्रकारचो प्रभाव पडचो ना अशें म्हणलां. पूण हें चुकीचें आसा. हया प्रकल्पाचो थेट प्रभावनुस्तेकार आनी वास्को शारांत रावपी लोकांचेर जातलो.	-
gg.	ओल्ड गोवा ही वारसो वास्तू हया प्रकल्पाच्या 15 कि.मी. क्षेत्रा मदीं आसा. प्रकल्प प्रस्तावकान हें लिपोवपाचो प्रयत्न केला.	29. ज क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
hh.	प्रकल्प प्रस्तूत करतल्यान हो प्रकल्प दाट लोक वस्तेंत आशिल्ल्याचें न्हयकारलां .ही एक स्पश्ट फट आसा, कारण हो प्रकल्प वास्को शारांत पडटा.	विधान सारकें ना. ही सुवात एम.पी.टी.च्या अधिसुचीत उद्देगीक वाठारांत पडटा, जी वास्को शारा कडल्यान पयस आसा.
ii.	प्रकल्प प्रस्तावकान सद्याचो प्रकल्प प्रदुशण करता हें न्हयकारला. ही फट आसा कारण प्र.नि.मंडळान म्हणलां ते प्रमाण जे.एस.डब्ल्यु.न हाताळिल्ल्या कोळश्याक लागून प्रदुशण जाता.	विधान सारकें ना. I घ. दिल्ली जाप आनी वयर भासाभास केल्ले साबार मुद्दे पळोवचे.
jj.	कोळसो हाताळणी आनी साधन सुविधा वाडोवपाचो निर्णय सामान्य मनशां कडल्यान लिपोवन दवरलां .हें संविधानांतले तरतुदीचें उल्लंघन थारता.	विधान सारकें ना.
kk.	प्रकल्प प्रस्तावकाचो पुर्व इतिहास बरो ना. पयले सुवातेर जे.एस.डब्ल्यु. चेर बेकायदेशीर कोळश्याच्या उपक्रमा खातीर कारवाय जाल्ली. दुसरे सुवातेर, जे.एस.डब्ल्यु आड खारफुटी कातरपा संबंदान गुन्यांवकारी खटलो दाखल जाला. तिसरे सुवातेर, 8 बँकांनी जे.एस.डब्ल्यू. चेर तांचे 7000 कोटी रुपया वसूल करपा खातीर कारवाय सुरू केल्या.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
ll.	ओ.एस.एच.ए.एस. न जे.एस.डब्ल्यु. क उल्लंघना खातीर I लाख डॉलर्सां वयर दंड दिला.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
mm.	जे.एस.डब्ल्यु. कडेन पुर्वी दर्या धडेर फावोशीं साधन सामुग्री आसा, पश्चिमी दर्यादेगेर फकत सुवार्था खातीर ती सक्रीय आसा.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना. बर्थ 5(ए) आनी 6 (ए) चेर कोळश्याची येरादारी 2004 सावन एस.डब्लू.पी.एल. करता.

nn.	प.प्र.त. अहवाला प्रमाण धरिल्ल्या नुस्त्याचें प्रमाण व्हडा प्रमाणांत दैवूंक लागलां. हो प्रकल्प आयल्यार हें प्रमाण आनीक दैवतलें.	विधान सारकें ना. ही माहिती प.प्र.त.च्या पाठ 3, तकटो 3.42, पान 3-75 हांतूत दिल्या आनी ताचे प्रमाण 2011-15 ह्या काळांत समुद्री नुस्त्याचें उत्पादन वाडिल्ल्याचें स्पश्ट दिसता. (स्रोतः नुस्तेंमारी संचालनालय, गोंय सरकार)
oo.	रेल्वे रुळाचें दुपेटीकरण लोकांच्या आनी भौशीक हिताच्या आड आसा.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
pp.	प.प्र.त. अहवालांत भुगर्भीय माहितीचो आसपाव ना, सड्याची दोंगुरले वाटेनची धड कोंसळपाच्या मार्गार आसा.	हें विधान उखलापें आनी चुकीचें आसा. सड्याचेर कसलेंच बांदकाम अपेक्षीत ना.
qq.	आयचें भौशीक सुनावणेक आपणायल्ल्या प्रक्रियांक कायदेशीर मान्यताय ना.	जाप दिवंक ना.
rr.	प.प्र.त. अहवाल हवामान बदलाच्या प्रस्नाचेर कांय उलयना.	1. ए. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ss.	ह्या प्रकल्पा भाशेन हेर उपक्रम लागसार ना,हें प्रकल्प प्रस्तावकाचें विधान फट आसा, हाचें कारण ह्या प्रकल्पाक तेंकुनूच अदानीची कोळसो हाताळणी कंपनी आसा.	ही एक नदर चुकीन जाल्ली चूक आसा. अंतीम प.प्र.त. भितर ती 'मुरगांव नगर पालिका' अशें सुधारतले. तरी लेगीत थळाचेर एकठांय केल्ली माहिती सगळ्या प्रकल्पांचो एकवटीत परिणाम आसा. देखून मुळाधार माहिती कडेन तडजोड करूंक ना.
tt.	वॅपकोस ह्या सल्लागारान भौशीक सुनावणेच्या तिनूय प्रकल्पांचो अभ्यास केला,हे तिनूय प.प्र.त .एका सारकेच आसात.	वॅपकोस ही एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा आनी तिका साबार प्रकल्पांचो अणभव आसा.
uu.	कसलोच संदर्भ दिनासताना अहवालांत आधाराविणें विधानां केल्यांत आनी माहिती संकलनाची पद्धत चुकयल्या. प.रा. मंत्रालयान ह्या सल्लागाराक काळ्या यादींत घालचो अशी मागणी तांणी केली.	जाप दिवंक ना.
vv.	मुळाधार माहिती धोक्यांत आयिल्ल्या जल-जिणे विशीं कांयच उलयना.	विधान सारकें ना. ही माहिती प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.9, पान 3-61 मजगती दिल्या. (पोवळीं, कासयो, ड्युगॉन्गस, सी वीड, खारफुटी आदी.)
ww.	प.प्र.त. अहवालां90प्रजातींचो उल्लेख केला, प्रत्यक्षांत मात हांगां 400 प्रजाती आसात.	हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.18.2 पान क्र. 3-66 मजगती दिला. (उभयचर, सरपटे, सुकणी, सस्तन मोनजाती आदी.)
xx.	नुस्तेमारीचेर आनी जुवारी न्हयेंतल्या प्रदूशणा विशीं एन.आय.ओ. चो अहवाल हे सारखेल्या दुय्यम माहितीचो विचार प्र.प्र.न करूंक ना.	प.रा.ह.ब.मं. ज़ारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास केला.
yy.	घ.क. 2.5 आनी घ.क. 10 हांच्यो नोंदी जायतश्यो	जाप दिवंक ना. मान्यताय प्राप्त यंत्रणां वरवी माहिती संकलन आनी

	बरयल्यात.	विश्लेशण केला.
zz.	प्रतिबंधात्मक तत्वां आनी चिरस्थायित्व हांचे विशीं हो अहवाल कांयच सांगिना. हाचें क्यल्यान सल्लागाराचो पुर्वग्रह दिश्टी पडटा.	प.रा.ह.ब.मं. जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास केला.
aaa.	ह्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक ताणें खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	36. इनासियो डायस, नावेलीं :	
a.	प्रकल्प प्रस्तावकान एके गुन्यांवकारी यंत्रणे वरवीं हो प.प्र.त. तयार केला. हे यंत्रणेची चौकशी जावन तिका काळे वळेरेंत घालपाक जाय.	वॅपकोस ही एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा आनी तिका साबार प्रकल्पांचो अणभव आसा.
b.	प्र.प्र.न फॉर्म I वयले वयर भरला. आयची सुनावणी घेवचे पयली प्र.नि. मंडळान हो अहवाल नियाळूंक जाय आशिल्लो.	जाप दिवंक ना.
c.	प्रस्तावीत प्रकल्प रद्द करूंक जाय.	जाप दिवंक ना.
d.	अभिजीत प्रभुदेसाय हाका प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचेर नेमपाक जाय. प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे अधिकारी अकार्यक्षम आसात. बारीकसाणेन अभ्यास करून सत्य उक्ताडार हाडलें, हाजे खातीर ताणें अभिजीत प्रभूदेसायाची तुस्त केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	प्र.नि. मंडळान फकत आयचे सुनावणेचें इतिवृत्त प.रा. मंत्रालयाक धाडिनासताना ह्या प्रकल्पा विशीं आपलो शेरो लेगीत धाडपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	37. मॅगी सिल्वेरा, अध्यक्ष, भारत मुक्ती मोर्चा, गोवा युनीट :	
a.	प्र.प्र.आनी सरकारी अधिकारी हांणी गोंय काबार करूंक हात मेळोवणी केल्या.	जाप दिवंक ना.
b.	वास्कोच्या लोकांक त्रास दिवपा खातीर गों.रा.प्र.नि.मं. न तीन दीस सेगीत भौशीक सुनावणी दवरल्या.	जाप दिवंक ना.
c.	प्रस्तावीत उपक्रमाक हजारांनी करोड लिटर उदक वापरतले.	विधान सारकें ना.
d.	प्रस्तावीत प्रकल्पाचो गोंयकारांक कसलोच फायदो ना.	जाप दिवंक ना.
e.	हो प.प्र.त. अहवाल एक दोशपुर्ण दुकूमेंत आसा.	वॅपकोस ही एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा आनी तिका साबार प्रकल्पांचो अणभव आसा.
f.	गो.रा.प्र.नि.मं. न आयचे सुनावणे पयलीं हो अहवाल तपासूंक जाय आशिल्लो.	जाप दिवंक ना.

g.	उदक एक गरज, फोल्ग न्हय. उदक ही आमकां सगळ्यांक मेळिल्ली एक देंण. फकत उजो पालोवपाक जिंदालाक दिसाक सात लाख लीटर उदक लागतलें. म्हळ्यार वर्सांक 3,28,500,0000 इतलें लिटर उदक वर्सांक कंपनीक लागतलें.	एस.डब्लू.पी.एल. धुल्ल दमना खातीर खंयचेच पिवपाचे उदक वापरची ना. उदकाचो स्रोत 5 ई भितर सांगला.
h.	जेन्ना उदकाचे टँकर येतात तेन्ना एका कुटुंबाक 200 लिटर उदक लेगीत मेळना. तशेंच शाळेंतल्या भुरग्यांक नितळसाणें खातीर लेगीत उदक मेळना. पूण जिंदाल मात मनीसपण काबार करपा खातीर उदक वापरतलो.	एस.डब्लू.पी.एल. धुल्ल दमना खातीर खंयचेच पिवपाचे उदक वापरची ना. उदकाचो स्रोत 5 ई भितर सांगला.
	38. जुजे फिलीप डिसौजा, खारीवाडा वास्को :	
a.	पुलिसांनी भौशीक सुनावणेक आयिल्ल्या लोकांक उदक हाडपाक आडायले ते खातीर विरोध केलो.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
b.	वास्कोकारांक तेंको दिवपाक पुराय गोंयांतल्यान लोक आयिल्ले आसात. पूण वास्कोचो आमदार आनी वास्कोचो नगराध्यक्ष मात हाजीर रावूंक नात.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
c.	वास्को शार फाटल्या कितल्याश्याच वर्सां सांवन हवा प्रदुशण भोगता आनी आयज दर्या लेगीत प्रदुशीत जाला.	हवा प्रदुशणाचो मुखेल स्रोत म्हणल्यार हवेंत हुबपी धुल्ल जो प्रकल्प थळाचेर राबयल्ल्या प्रदुशण नियंत्रक उपायानी उणो करतले. तशेंच खूप उण्यां प्रमाणांत जाल्ले स्राव पयस मेरेन हुबून पावचेना. बंदर टर्मिनला वयल्यान दर्यांत सांडपाणी सोडचे नात.
d.	एम.पी.टी. येवच्या पयलीं थळावे नुस्तेकार वास्कोंत रावताले. पूण आयज एम.पी.टी वास्कोकारांचो छळ करता.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
e.	खारी वाड्या लागीचो दर्या, कोळसो हाताळणी प्रकल्पाक लागून पुराय रितीन प्रदुशीत जाला.	बल्क कार्गोचेर जावपी उदक फवारणी नियंत्रीत आसता आनी तें उदक कार्गोंत रिगता/मुरता. पोर्ट टर्मिनला वयल्यान कसलेंच सांडपाणी दर्यांत वचना. लिचेट आसलेंच जाल्यार तें एका सांठवण-फोंडांत एकठांय करतात, जंय गाळ तळाक बसता. तळाक बशिल्ले घनकण थरावीक अंतरान एकठांय करतात आनी तांचो सुरक्षीतपणान विलो लायतात.
f.	अदानीन हो प्रकल्प पुराय रितीन सुरू केलो जाल्यार वास्कोंतलें प्रदुशण 200टक्क्यांनी वाडटलें.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
g.	बर्थ 11 चेर आतां वुडन चिप्सांची हाताळणी जाता. हया चिप्सांक लागून थळाव्या नुस्तेकारांचे भलायकेचेर परिणाम जाता.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.

h.	फाल्यांची भौशीक सुनावणी ड्रेजिंगा खातीर जातली जाका लागून ह्या वाठारांत भूंयस्खलन जातलें.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
i.	सरकाराची जापसालदारकी लोकांची भलायकी पळोवपाची आसता, कंपन्यांचो फायदो न्हय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
j.	आनीक एक प्रस्ताव खारीवाड्याच्याफाटल्यान कार्गो हाताळणे खातीर भेटयला.	विधान प्रकल्पा कडेन संबंदीत ना.
k.	वास्को शारांत कोळसो हाताळणेक लागून सेगीत प्रदुशण जाता.	जाप दिवंक ना.
l.	वास्कोकार वास्कोंतली कोळसो हाताळणी पुराय रितीन थारले बगर कशेच वोगी बसचेनात.	जाप दिवंक ना.
m.	लोकांनी मांडिल्लीं सगळीं मतां नोंद करून तीं प.रा. मंत्रालयाक धाडून दिवपाची विनवणी तांणी केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
n.	वास्कोंतलें कोळसो प्रदुशण आडावपाक प्राधान्य दिवपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
o.	कोळश्याच्या धुल्लाक लागून वास्कोंत जायते अपघात लेगीत घडटात.	विधान सारकें ना.
p.	कोळसो प्रदुशण थांबयलें ना जाल्यार लोक एक व्हड आंदोलन उबे करतले.	जाप दिवंक ना.
q.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक तांणी खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	39. जॉन फेर्नांडीस, बाणावले :	
a.	गेटीचेर पुलीस उबे राविल्ल्या खातीर ताणी विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	पुलीस कंपनीची राखण करपाक आयल्यात, असो आरोप तांणी केलो.	जाप दिवंक ना.
c.	सुनावणेचे सुरवेक जें सादरीकरण केलें तें सल्लागारान केलां. हें सांगून आयज एम.पी.टी. चे अधिकारी कित्याक हाजीर नात, असो प्रस्न तांणी केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	तीन वेगवेगळ्यो भौशीक सुनावण्यो कित्याक जाय आशिल्ल्यो.	प.रा.ह.ब.मं. कडल्यान प्रस्तावीत प्रकल्पा खातीर स्वतंत्र सं.सं. मेळयल्यात. तशेंच 22 एफ.क दिल्ली जाप पळोवची.
e.	प.प्र. न लोकांच्या प्रस्नाक जापो दिवंक नात, हाचो तांणी विरोध केलो.	गों.रा.प्र.नि.मं.क लिखीत जाप दितले.
f.	भौशीक सुनावणेचे बसपाचे वेवस्थेचेर उलयतना एके वटेन लोक आनी दुसरे वटेन अधिकारी आनी	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

	प.प्र. चे प्रतिनिधी अशी वेगळी वेगळी वेवस्था केल्ले खातीर तांणी विरोध केलो.	
g.	नुस्तेंकार संघटनेन एन.जी.टी. कडेन केस घातिल्ली खातीर तांणी तांची तुस्त केली.	जाप दिवंक ना.
h.	ह्या प्रकल्पाक लागून गरीब नुस्तेंकार आनी जल पर्यावरण दोनूय नश्ट जातले.	15. ट आनी 15. त क दिल्ली आमची जाप पळोवचीं.
i.	दोशपुर्ण सादरीकरणाक लागून तांणी प.प्र.त. अहवालाक विरोध केलो. तशेंच वेपकोसाक लेगीत तांणी विरोध केलो.	36. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
j.	ह्या प.प्र.त अहवालांत चुकिची माहिती घातल्या, सामान्य मनीस, नुस्तेंकार हांचे जिणेचेर ह्या प्रकल्पाचो कितें परिणाम जातलो ते विशीं अहवालांत कांय सांगिल्लें ना.	विधान सारकें ना. 17. ग आनी 35. म क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
k.	हवा, उदक आनी माती हांचेर कसलोच परिणाम जावचो ना अशें विधान प.प्र.त. अहवालांत केलां, तें फट आसा.	विधान सारकें ना.
l.	स.स.ला. (सी.एस.आर.) करून पर्यावरणी प्रदुशणाची भरपाय जावची ना.	जाप दिवंक ना.
m.	कोळश्या सारक्या जिवाश्म इंधनाच्या वापराक लागून प्र.प्र. पर्यावरणाक बाधा हाडटलो.	जाप दिवंक ना.
n.	भूंयथळी परिस्थितिचेर कसलोच परिणाम जावचो ना अशें विधान अहवालांत केलां, ताचेकडेन तांणी असहमती दाखयली. तशेंच ह्या प्रकल्पांत ड्रेजींग आनी पुनर्वसन हांचो आसपाव ना, हें विधान लेगीत चुकीचें आसा. गोंयांतल्यान कोळसो कर्नाटकांत व्हरपाक एक खाशेलो रेल्वे ट्रॅक कंपनी खातीर बांदतात.	प्र.प्र.न आधुनिकीकरणाचो भाग म्हूण कसलेच ड्रेजिंग वा पुनर्वसन प्रस्तावीत करूंक ना. आधुनिकीकरण आनी क्षमताय वाड हांचो ड्रेजिंगा कडेन कांयच संबंद ना. आनी हो वावर फकत दर्यादेगेचेरूच चलतलो. एस.डब्लू.पी.एल.न रेल्वे दुपेटीकरणाची मागणी करूंक ना.
o.	राज्य सरकार हे कंपनीक तांकां जाय तशें करूंक मान्यताय दिता.	जाप दिवंक ना.
p.	हे भौशीक सुनावणेंत एकाय मनश्यान प्रकल्पाच्या फावरार उलोवप करूंक ना.	जाप दिवंक ना.
q.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक ताचो खर विरोध आसा आनी कोळसो हाताळणी थांबोवपाक बेगोबेग पावलां उबारचीं.	जाप दिवंक ना.
r.	गोंयां भायल्या उद्देगांनी वापरिल्लो कोळसो	जाप दिवंक ना.

	गोंयांतल्यान व्हरपाक जायना.	
s.	प्रकल्प प्रस्ताव्कान ह्या वाठाराचे भलायकेचो कसलोच अभ्याक करूंक ना.	प.रा.ह.ब.मं. जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास केला.
t.	कोळसो प्रदुशण थांबोवंक ना जाल्यार गोंयकार आंदोलन करतले.	जाप दिवंक ना.
u.	पुराय प्रस्तावीत प्रकल्पाक ताणी खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	40. सिरील ए. फेर्नांडीस, आल्त चिखली :	
a.	प.प्र.त अहवाल आनी कार्यकारी सारांश प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या 10 कि.मी. त्रिज्या वाठारांतल्या बारीक पंचायतींक दिवंक ना. ही भौशीक सुनावणी ताका लागून फुडें ना धुकलपाच्या अध्यक्षांच्या निर्णयाक तांणी विरोध केलो. हाका लागून त्या बाधीत गांवांक आपलीं मतां मांडपाच्या अधिकारा पासून वंचीत केल्यात, हें प.प्र.त. मार्गदर्शक सुचोवण्यांचें उल्लंघन आसा.	7. ख आनी 7. ग दिल्ली आमची जाप पळोवची.
b.	हाचे आदीं एक फावट प्रदुशण नियंत्रण मंडळान चुकिची तारीख थारायल्ल्या खातीर आनी दुसरे फावट सुनावणेची सुवात ल्हान आशिल्ली म्हणून दोन फावटी ही सुनावणी फुडे धुकल्ल्या.	जाप दिवंक ना.
c.	लोक सदांच सुनावणेंत वांटेकार जावपाक इत्सूक आसले.	जाप दिवंक ना.
d.	30दिसां भितर लोकांनी हरकत घेवंक ना हाजो अर्थ ते आयज हरकत घेवपाक अपात्र थरनात.	जाप दिवंक ना.
e.	बाधीत गांवांक प.प्र.त. अहवाल आनी सुचोवण्यो धाडपाच्या कामांत प्रदुशण नियंत्रण मंडळान आळसाय केल्या.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	मुळावो अभ्यास प्रकल्प सुवाते पासून 5 कि.मी. भितर जाल्यार दुय्यम अभ्यास 15 कि.मी. भितर करूंक जाय आशिल्लो.	1. ए. क आनी उप-जापो पळोवच्यो
g.	ह्या अहवालांत तसो अभ्यास करूंक ना. (भाग 1.6) आनी देखून हो अहवाल भायर मारपाक जाय.	साबार तरांच्या प्रकल्पांचे अणभव आशिल्ली वॅप्कोस ही एन.ए.बी.ई.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा. संदर्भ संहितांचे फासकेंत रावन प.प्र.त. अहवाल भोवच बारीकसाणेन तयार केला. जुस्ताजुस्त आनी प्रकल्प-विशिश्ट व्याप्ती, प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो अतिरिक्त सं.सं., क्षेत्र-विशिश्ट प.प्र.त. मार्गदर्शक पुस्तिका आनी क्षेत्र-विशिश्ट सं.सं. हांचेर आदारून हो प.प्र.त. अहवाल तयार केला.
h.	एम.पी.टी. करूंक सोदता त्या ड्रेजिंगांच्या वावराचो ह्या प्रकल्पा कडेन नाळी सारको संबंद	22 एफ.क दिल्ली जाप पळोवची.

	आसा.	
i.	प्रकल्प प्रस्तावक हाचे आदींच कोळसो हाताळणेच्या वेवसायांत गुंतला आनी देखून तांणी 15 कि.मी.चो अभ्यास करूंक जाय आशिल्लो.	विधान सारकें ना.
j.	हया अहवालांत वाऱ्याच्या दिशे संबंदांत जायत्यो विसंगती आसात आनी वातचक्र दिल्लें ना.	विधान सारकें ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठा 3 अनुभाग 3.3, पान क्र. 3 चेर आयला. (वाऱ्याची गती आनी दिशा, आय.एम.डी. अहवाल 1981-2000)
k.	भौं.ह.गु.त. अहवाल चुकीचे पद्दतीन दिला आनी प.रा. मंत्रालयाच्या सुचोवण्यां प्रमाण तो एका वर्सा खातीर करिनासताना फकत तीन म्हयन्यां खातीर केला, देखून हया अभ्यासाचेर पातयेवपाक मेळना.	हो अभ्यास तीन म्हयन्यांच्या काळा खातीर केला. देखून रा.भौं.ह.गु. स्तरांचीं वर्सुकी सरासरी तुळा करूंक ना, जें परंपरेक धरून आसा.
l.	हया अहवालांत मुळावी माहिती चुकिची आसा. तातूंत बायणा दर्या देगेर तांतीं घालपी कासयेचो उल्लेख ना, तशेंच नुस्तेंकारांची लोकसंख्या चुकयल्या.	विधान सारकें ना. क्वचीत तांतयां घालपाच्या घडणुकांक कासवाचीं प्रजनन सुवात अशें म्हणू येना. त्या भायर पाठ 3 अनुभाग 3.19, पान क्र. 3-72 मजगती माहिती दिल्या. (नुस्तेमारी उत्पादन आनी अभ्यास वाठारांतले नुस्तेकार, स्रोतः नुस्तेमारी संचालनालय गोंय सरकार.)
m.	हया अहवालांतल्यान भायर दवरिल्ल्या साबार गांवांची वळेरी तांणी वाचून दाखयली आनी देखून त्या गांवांचेर जावपी प्रभाव अहवालांत दाखोवंक ना अशें म्हणलें.	20. ई आनी 20. च क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
n.	पाठ 4 परिच्छेद 2.2 भितर हया प्रकल्पांत ड्रेजिंग पुनर्वसन आनी दर्यांतलें बांदकाम आसचें ना अशें म्हणलां.	विधान सारकें ना. 22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
o.	हया विधानाक तांणी विरोध केलो आनी हया प्रकल्पाक ड्रेजिंग गरजेचें आसा अशें सांगलें.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
p.	प्रकल्प सुरू जाले उपरांत जेटी वयलो कोयर, जहाजांतलो कोयर, कारगोंतलो कोयर, कोळश्यांचें आनी स्टॅक यार्डांतलें सांडपाणी, घरगुती सांडपाणी आनी बर्था वयलें सांडपाणी हांचो विलो लायतले अशें म्हणलां, हें सगळें सांडपाणी एका सांठवण फोंडांत साठयतले, ताचेर प्रक्रिया करतले आनी जो स्लज तयार जाता तो गांवच्या लोकांक इंधन म्हूण वापरपाक दितले अशें म्हणलां (4.11). प्रकल्प प्रस्तावका कडेन फाटलीं 10 वर्सां अश्यो	विधान सारकें ना. हो भाग प.प्र.त.च्या पाठ 4 अनुभाग 4.3 भितर दिला. तशेंच पाठ 4 अनुभाग 4.3 पान क्र. 4.11 हांतूत सांठवण टांकयांचो उल्लेख केला. आमच्या प्रकल्पांत स्लज केक वितरीत करिनात कितेंय जाल्यार प.प्र.त.ली माहिती शक्तीची आसना.

	सांडपाणी टांकयो आसात व्हय? तशेंच इतल्या वर्सा निर्माण जाल्लो स्लज तांणी खंयच्या गांवकारांक विकलो तांची वळेरी दिवची अशी मागणी तांणी प्र.नि.मं.क मंडळा कडेन केली.	
q.	प्र.नि. मंडळाच्या अधिकाऱ्यान ही माहिती लिखीत स्वरूपान फाल्यां दितलें अशें सांगलें.	-
r.	कोळश्याच्यो राशी एके विशिश्ट उंचायेच्योच आसतल्यो. हीं सगळीं केंद्रां धापून दवरतले? राशींची उंची कितली आसतली? अशे प्रस्न ताणी मंडळाक विचारले.	कोळश्याच्या राशींक दोन स्तरी संरक्षण आसता. तशेंच राशी दाळटना वा उसपीतना ताचेर उदकाची फवारणी करतात. त्या भायर राशींतल्यान धुल्ल हुबचो न्हय म्हूण फावो त्या आकाराच्यो वारो आडावपी धडो उबारतात.
s.	कोळसो हाताळणेक लागून हवा प्रदुशण जातलें अशें अहवालांत मान्य केलां.	विधान सारकें ना.
t.	हवा प्रदूशण आनी वातचक्र हांचो अभ्यास तीन म्हयन्यां खातीर न्हय तर एका वर्सा खातीर करचो पडटा.	गरजेचें नमुनांकण हो प.प्र.त. अभ्यासाचोच वांटो आशिल्लो. प.प्र.त.त दिल्ले वाट चक्र दिर्घकालीन माहितीचेंर आदारीत आसा.
u.	अहवालांत प्रकल्पा लागीं नुस्तेंमारीचो कसलोच उपक्रम ना अशें म्हणलां.	विधान सारकें ना. बंदर क्षेत्रांत आनी चॅनला लागीं सुरक्षेच्या कारणा वयल्यान, हें बंदर आय.एस.पी.एस.ची पुर्तताय करपी आशिल्ल्यान हांगा नुस्तेमारीक बंदी आसा.
v.	प्रकल्पा लागीं वास्को फिशींग जेटी ना अशें चुकीचें विधान केलां.	विधान सारकें ना.
w.	हया विधाना खातीर प्रकल्प प्रस्तावकाचेर गुन्यांवकारी कारवाय जावपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
x.	आपल्याक प्रकल्प प्रस्तावकान केल्ले जलजिणेचेर आनी नुस्त्याचेर कसलोच परिणाम जावचो ना हें विधान मान्य ना.	15. ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची. नुस्तेमारी उत्पादन आनी जमनी वयली कार्गो हाताळणी हांचे मदीं कांयच संबंद ना.
y.	पान 5 ते 14 मजगतीं कोळश्यांच्या राशींचेर उदक फवारणी केल्ल्यान कसलोच रेबो / लिचेट निर्माण जावचो ना अशें म्हणलां. प्र. प्र. न फाटलीं 10वर्सां बर्थ 5एआनी 6ए चेर कोळश्याच्या राशींचेर मारपा खातीर कितलें उदक मारलां ताजो तपशील ताणी प्र.दू. मंडळाक विचारलो.	15. ट क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
z.	कोळश्याच्या राशींक लागपी उजो पालोवपा खातीर केन्ना केन्ना उदक लागतलें हया प्रस्तावकाच्या मताक तांणी विरोध केलो.	21. च र दिल्ली आमची जाप पळोवची.
aa.	अहवालांतल्या हया परिच्छेदा संबंदान ताणी प्र.नि.मंडळाक मत विचारलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

bb.	कोळश्यांच्यो राशी तडपत्रेन धापून दवरतात अशें विधान प्रकल्प प्रस्तावकान केलां, तें सद्याच्या प्रकल्पा खातीर काय मुखा वयल्या असो प्रस्न ताणी मंडळाक विचारलो.	40. द क दिल्ली आमची जाप पळोंवची.
cc.	कोळश्याच्या धुल्लांत जड धातूंचें संदुशण आसता जाचो वास्कोकारांचे भलायकेचेर आनी पर्यावरणाचेर परिणाम जातलो.	4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
dd.	अहवालांत प्रस्तावीत हरितपट्टया विशीं जें म्हणलां तें आदल्या अहवालांतल्यान कॉपी मारलां.	बंदर टर्मिनल क्षेत्र निश्चीत आशिल्ल्यान हरीतपट्टो हाचे आदींच विकसीत जाल्लो आसा. झोपां आनी उंच सावळी दिवपी झाडां (देखीक लाँगीफोलिया) लायतले. हरीतपट्टो विकासा खातीरचें अदमास पत्र पाठ 5 अनुभाग 5.36, पान क्र. 5-23 मदीं दिला.
ee.	अहवालांत खंयच प्रकल्पा खातीरचो अदमासी खर्च दिल्लो ना.	विधान सारकें ना.
ff.	स.स.जा. खातीर कंपनी कितलो निधी दवरता? हया प्रस्नाक जाप दितना प्रकल्प प्रस्तावकाक एकूण नफ्याच्या 2 टक्के अशी जाप दिली. ताका विरोध करताना प्र.प्र.क पर्यावरणीय वेवस्थापनाचो खर्च स.स.जा खातीर दाखयल्ल्या बद्दल तांणी हरकत घेतली. तांणी सांगलें पर्यावरणाचे वेवस्थे खातीरचो निधी स.स.जा. तल्यानयेता.	एकूण नफ्याच्या 2% वांटो सी.एस.आर.चेर खर्च करप गरजेचें अशें प्र.प्र.न सांगलें.
gg.	कंपनी जर फायदो करिना जाल्यार ती स.स.जा. खातीर खंयचे पयशे हाडटली?	प.वे.ये.चेर जावपी खर्च सी.एस.आर.चेर जावपी खर्चा परस वेगळो. देखून फायदो जांव वा ना प्र.प्र. प.वे.ये. राबयतलोच.
hh.	स.स.जा. खातीर खर्च केल्ले रकमे विशीं पाठ 9 भितर जे आंकडे दाखयल्यात तांकां ताणी खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
ii.	आमी स.स.जा. कडेन पर्यावरण वेवस्थापन येवजण जोडिल्ली ना अशें प्र.प्र. न जाप दितना सांगलें.	प.वे.ये. आनी सी.एस.आर. अदमास पत्रकां स्वतंत्रपणान तयार केल्यांत.
jj.	प्र.नि. मंडळाक पर्यावरणाची राखण करूंक अपेस आयलां, देखून लोकांक व्हडा संखेन रस्त्यार येवचें पडटा.	जाप दिवंक ना.
kk.	तीन दीस, तीन वेगवेगळ्यो सुनावण्यो घेवपाच्या निर्णयाक ताणी विरोध केलो.	-
ll.	ताचेर जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी कोर्टाच्या निर्णयाक लागून तशें करचें पडलें अशें सांगलें.	-
mm.	संदर्भ सहिते भितर जायतें उल्लंघन दिश्टी पडटा, तें अशें-	-

	a. सं.सं. 3 प्रमाण लिचेटाचें प्रमाण थारायल्ले ना.	बल्क कार्गोचेर जावपी उदक फवारणी नियंत्रीत आसता आनी तें उदक कार्गोंत रिगता/मुरता. लिचेट आसलेंच जाल्यार तें एका सांठक्ण-फोंडांत एकठांय करतात, जंय गाळ तळाक बसता.
	b. सं.सं. 4 प्रमाण कार्गो हाताळणेचे तपशील आनी माहिती दिल्ली ना.	विधान सारकें ना. पाठ 5 अनुभाग 5.3, पान क्र. 5 पळोवचे. धापिल्ले शेडीची वेव्हारिक्ताय तपासप चालू आसा. ताचेर उभारणेंत जायती आव्हानां आसात. हो प्रस्ताव ई.ए.सी., प.रा.ह.ब.मं. हांकां प.प्र.त. सादरीकरणा वेळार भेटयत्ले आनी तांची परवानगी मेळटकच कारवाय करतले.
	c. सं.सं. 8 प्रमाण नुस्तेमारी उपक्रमाचें तपशील दिवंक नात. नुस्तेमारीचेर प्रभाव जावचो ना ह्या विधानाक विरोध केला.	हें बंदर आय.एस.पी.एस. पुर्तताय करपी आशिल्ल्यान चॅनला लागी सुरक्षेच्या करणाक लागून नुस्तेमारी बंदी आसा. पाठ 3 अनुभाग 3.19 (नुस्तेमारी) पळोवचो. नुस्तेमारीचो आनी सामुग्री हाताळणेचो कांयच संबंद ना.
	d. सं.सं. 10 भों.ह.गु. अभ्यास फकत तीन म्हयन्यां खातीर केला.	पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयान जारी केल्ल्या सं.सं. प्रमाण प.प्र.त. अभ्यास केला.
	e. सं.सं.11 प्रमाण कोर्टांत केशी चल्ल्यात तांची माहिती सुनावणेंत दिवंक ना.	एन.जी.टी.ली केस ड्रेजिंगा संबंदांतली आसा. प्रस्तूत प्रकल्पांत ड्रेजिंग ना.
	f. सं.सं. 12 प्रमाण कोळश्याची हाताळणी वाडोवपा खातीर रेल्वे आनी रस्त्याचे जोडणेची गरज प्रकल्प प्रस्तावकान मान्य केल्या पूण वाडीव येरादारीचो पश्चीम घाटाचेर कितें परिणाम जातलो ताची माहिती अहवालांत दिल्ली ना.	प्रकल्पांत सद्या कार्गोची येरादारी रस्त्यवेयल्यान जायना आनी प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाच्या पांवड्यार लेगीत ती अपेक्षीत ना. सगळे वटेन दोरयेन सीलबंद करपा सयत, चल वॅगन लोडींग यंत्रणां वापरून लोडिंगाचो वावर सुरू जाले बराबर सगळ्या कार्गो व्हरपी रेल्वे दब्यांक धांपपाचो वावर पुराय जाता, जाका लागून कार्गोतल्यान भायर धुल्ल हुबूंक पावना. हो एक शुन्य-अपवाद आनी शून्य-दोश उपक्रम जावन आसा, जो प्रकल्प प्रस्तावक भोवच कडकपणान राबयता.
nn.	कंपनीन प.रा. मंत्रालयाच्या नियमांचें उल्लंघन केलां. ज्या दिसा नमुने घेतल्यात, त्या दिसाची तारीख घातिल्ली ना. प्रस्तावकान फकत दोन दीस जलजिणेचो अभ्यास केला, तो असो करप शक्य ना.	विधान सारकें ना. पर्यावरणी मुळाधार माहिती तपासणीच्यो तारखो पाठ 3 अनुभाद 3.15, पान क्र. 3-17 मजगती सांगल्यात. पाठ 3न सांगिल्ले भशेन पर्यावरणी मुळाधार माहिती वयल्या पाठांतल्या पान क्र. 3-27 मदीं आयल्या. समुद्री नमुनें विंगड विंगड खोलायेच्या 7 वेग-वेगळ्या केंद्रांतल्यान दोन दीस एकठांय केले. नमुने एकठांय केलें आनी तांचे विश्लेशण केलें. हें करपाक जायते दीस लागले. ही गजाल प.रा.ह.ब.मं.चे मान्यताय प्राप्त पद्दती प्रमान आनी प.प्र.त. मानक स्तरा प्रमाण आसा.

oo.	हो प्रकल्प परिस्थितिकी संवेदनशील वाठाराच्या 5 कि.मी. अंतरा भितर पडना, हया प्रकल्प प्रस्तावकाच्या विधानाक विरोध केलो. ताणें सांगलें,चिखली खाडी हया प्रकल्पाच्या 5 कि.मी. त्रिज्या वाठारांत आसपावता आनी थंयच्या विंडोपॅन ऑयस्टर्स (कालवां) हीं वन्यजीव संरक्षण अधिनियमाच्या संरक्षीत प्रजातीं भितर पडटात, पूण हे गजालीचो उल्लेख अहवालांत करूंक ना, तशेंच प.रा. मंत्रालयाचे नदरेक हाडून दिवंक ना, देखून हो अहवाल भायर मारपाक जाय.	ग्रांड आयलँडाचेर पोवळीं मेळटात ही गजाल प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.10, पान क्र. 3.61 मजगती सांगलें. पूण ग्रांड आयलँड हांगाच्यान सुमार 10 कि.मी.चेर आसा देखून हया वाठाराचेर विपरीत परिणाम जावपाची शक्यताय ना. ही माहिती प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.9, पान 3-61 मजगती दिल्या. (पोवळीं, कासयो, इयुगॉन्गस, सी वीड, खारफुटी आदी.)
pp.	अभ्यास वाठारांत कोरल्स (पोवळीं) मेळ्ळ्यांत. दोशपूर्ण फॉर्म-I भरिल्ल्यान हया आदाराचेर सं.सं. जारी केल्यात.	40. णण क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
qq.	अध्यक्ष, जे दक्षिण गोंय जिल्लो आपत्ती वेवस्थापन समितीचे सदस्य-सचीव आसात, तांकां ऑयल टांकयांक उजो लागल्यार आपत्ती वेवस्थापनाचे कसले उपाय आसात काय म्हूण प्रस्न विचारलो. प्रकल्प थळाचे शिमेचेर 28 पेट्रोलियम टांकयो आसात, तें प्र.प्र.न उक्तें करूंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
rr.	ताचेर अध्यक्षांनी थळाचेर आनी थळा भायल्या आपत्ती खातीरची वेवस्थापन येवजण आसा अशें सांगलें. आपत्ती वेवस्थापना खातीर थळाचेर आनी थळा भायर करपाची येवजण तयार आसा? अशें तांणी विचारले.	-
ss.	वास्को टायम बॉबाचेर बसलां आनी देखून आपत्ती वेवस्थापनाक प्राधान्य दिवपाक जाय. कोळश्याचे राशीं कडल्यान 10 मी. चेर प्रचंड अमोनिया टांकी आशिल्ल्यान हया वाठारांत उज्याचो धोको आसा.	एम.एस.आय.एच.सी. नियम 1989 प्रमाण कोळसो ही घातक सामुग्री न्हय. एस.डब्लू.पी.एल.चे अग्नीशमन यंत्रणेंत हायड्रंट यंत्रणा, फोम मोनिटर आसात जे कसलेय तरेचो उजो पालोवंक समर्थ आसात.
tt.	प.रा.मं.च्या बंदरां खातीरच्या नेमावळीचो संदर्भ दिवन, तिचे प्रमाण प्र.प्र.न संरक्षीत पारिस्थितिकी आनी संवेदनशील अशा 15 कि.मी.च्या भोंवतणीच्या वाठारांचे तपशील सादर करूंक जाय आशिल्ले.	वॅपकोस ही एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा आनी तिका साबार प्रकल्पांचो अणभव आसा. हो प.प्र.त. भोवच खोलायेन वचून प.रा.ह.ब.मं.न जारी केल्ले सं.सं. प्रमाण तशेंच मानक नेमावळी प्रमाण तयार केला.
uu.	15 कि.मी. अंतरा भितर ओल्ड गोवा चर्च, सलीम अली पक्षी अभयारण्य, रीश मागूश किल्लो, चिखली हांगाचे मॅगालिथीक केव्हस, सांकवाळची अवर लेडी ऑफ हॅल्थ चर्च आनी वेर्णेचे मॅगालिथिक्स हांचो आसपाव जाता.	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना. आधुनिकीकरणा भितर फकत परिणामकारक एकात्मीक आनी कुशळ ए.पी.सी.एम. बसयतले. पर्यावरण

		संवेदनशील वाठारांचेर खंयचोंच चडावत विपरीत परिणाम जावचो ना.
vv.	परिस्थितिकी संवेदनशील वाठारांच्या संदर्भांत चिखली खाडी, मांडवी खाडी हया प्रकल्प सुवाते पसून 15 कि.मी. वाठारांत पडपी सुवातींचो उल्लेख तांणी केलो.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ww.	15 कि.मी. वाठारांतलीं संरक्षण आस्थापनां, गोवा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ, आयएनएस गोमन्तक, आयएनएस हंसा, बांबोळेचें एम.टी.आर. हांचोय उल्लेख कंपनीन करूंक ना.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
xx.	चड दाटायेच्या लोकसंख्येचो सडा वाठार बंदराच्या शिमेर आसा. तशेंच पणजी शार वास्को हें 10 कि.मी. भितर आसा.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
yy.	10 कि.मी त्रिज्या क्षेत्रांत सी.आय.एस.आर. प्रयोगशाळा, एन.आय.ओ. पडटा. प.प्र.त. अहवाल तयार करूंक एन.आय.ओ. कडेन कित्याक संपर्क सादूंक ना?	वॅप्कोस ही भारत सरकाराचो उपक्रम आशिल्ली, एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत बंदरा खातीर प.प्र.त. अभ्यास करपी सल्लागार कंपनी आसा.
zz.	10 कि.मी त्रिज्या क्षेत्रांत जिल्लो बंदखण, इंडियन मॅरिटायम इन्स्टिट्यूट, जैवीक वाठार पडटात, तांचो प्र.प्र.न उल्लेख करूंक ना. प्रकल्पाच्या लागींच व्हडा संख्येन शाळा आनी हॉस्पिटलां आसात.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
aaa.	त्या वाठारांतल्या व्हडा संख्येन आशिल्ल्या दर्यादेगांचीय वळेरी प्र.प्र.न दिवंक ना. प.प्र.त अहवालांत ती ना. हेडलँड सडा हांगा भूंयस्खलन जाता आशिल्ल्यान ती 'सैमीक आपत्ती प्रवण क्षेत्रांत' पडटा.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची. एस.डब्लू.पी.एल.चे प्रस्तावीत उपक्रमांक लागून भूंयस्खलन जावपाची शक्यताय ना.
bbb.	प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या सामके लागीं 28 पेट्रोलियम सांठवण टांकयो आनी 5000 टनांची अमोनिया टांकी आसा, जांचो उल्लेख प्र.प्र.न करूंक ना.	40. ss क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ccc.	हो प.प्र.त. दोशपूर्ण आशिल्ल्यान तो परतो करपाक जाय.	40. tt क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
ddd.	हया प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाक खर विरोध.	जाप दिवंक ना.
eee.	प्रस्तावीत प्रकल्प मंजूर जाल्यार कोळसो प्रस्नाक लागून कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न निर्माण जातलो.	जाप दिवंक ना.
fff.	अदानी आनी जिंदाल 15 द.ट. कोळश्याची हाताळणी करता जाल्यार वेदान्त 5 द.ट. हाताळणेक सुरवात करतलो जाल्यार अदानीय बी विस्तार करतलो.	जाप दिवंक ना.

ggg.	क्रूज-बोटी (जलयात्रा जहाजां) आनी कोळसो प्रकल्प एकाच वांगडा आसूंक शकनात. एमपीटीन क्रूज बोटींचेर लक्ष दिवचें, कोळसो हाताळणेचेर न्हय. मुरगांव नगरपालिकेन शारांतली कोळसो हाताळणी बंद करपाचो थराव केला. ह्या विशयांत प्र.नि. मंडळान हस्तक्षेप करूंक जाय.	जाप दिवंक ना.
hhh.	तांणी अध्यक्षां कडेन पावर पॉयंट सादरीकरण करपाक दिवपाची विनवणी केली. प्र.प्र.क आपल्या उपक्रमा विशीं सादरीकरण करपाक दिल्या, तशीच परवानगी भागीदारांक लेगीत दिवची आनी लोंकांक प्रकल्पा विशीं माहिती दिवपाची संद दिवची. हो प्रस्न मंडळान प.रा.मं. कडेन उपस्थीत करचो.	जाप दिवंक ना.
	41. ॲड. सुनिल लोरान, वास्को, वास्को एडवोकेटस् एसोसियेशनाचो पदाधिकारी :	
a.	वास्को शारांतलें कोळसो प्रदुशण भोवच वाडलां आनी तें नियंत्रीत करपाक कारवाय करूंक जाय.	विधान सारकें ना.
b.	थळाव्या नुस्तेमारां कडेन सल्लो मसलत करून समुद्री-परिस्थितिकी विशीं विस्तृत अभ्यास करूंक जाय.	हो भाग पाठ 3 अनुभाग 3.17 भितर आसपावला. (समुद्री परिस्थितिकी)
c.	मंडळान फाटल्या तीन म्हयन्यांच्यो तपासणेच्यो भों.ह.गु. नोंदी जाणा जावपाची इत्सा परगटाली.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
	डिसेंबरांत भों.ह.गु. स्तर चड आसात अशी माहिती मंडळाच्या पदाधिकाऱ्यांनी दिली.	-
d.	प्र.प्र.न ताचें स्पश्टीकरण दिवंक ना आनी तांकां लागपी व्हडा प्रमाणांतलें उदक ते खंयच्यान हाडटलें, तें सांगूंक ना.	5. e क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	वास्कोंतलें कोळसो प्रदुशण थारावपाक प्र.नि.मं.न बेगोबेग कारवाय करची.	जाप दिवंक ना.
f.	कोळसो भोवच ज्वलनशील आसा आनी उजो लागपाचो तो व्हड धोको जावन आसा.	विधान सारकें ना. राशिंतल्या कोळश्या भितर जेन्ना व्हडा प्रमाणांत सल्फर आसता आनी जेन्ना तो व्हड काळ सांठावन दवरतात, तेन्नाच ताका उजो लागूं येता. एस.डब्लू.पी.एल. टर्मिनलाचेर मुखलेपणान कोक आनी थर्मल कोलाची हाताळणी जाता, देखून ताका उजो तागपाची शक्यताय साप्प उणी आसा. तरी लेगीत, कोळसो टर्मिनलाचेर 10 दिसां परस चड तेंप उरना. ताका लागून पेट घेवपाची शक्यताय आनीकूय उणी जाता. देखून दक फवारणी उजो पालोवपा खातीर न्हय तर प्रदुशण उणावपा खातीर करतात.

g.	येसादारी अवस्थे विशीं अभ्यास करूंक ना. ट्रक सुमारा भायर भरप आनी एमपीटीच्या ट्रकांनी नियमांचें केल्लें सेगीतचें उल्लंघन तांणी नमूद केलें आनी अंतीम दस्तावेजांत ताचो आसपाव करपाची सुचोवणी केली.	प्रकल्पांत रस्त्या वयली येरादारी अपेक्षीत ना.
h.	पर्यटन आनी नुस्तेमारी आमचे अर्थ-वेवस्थेची बुन्याद आसा आनी तिचेर कोळसो प्रदुशणाचो परिणाम जाता.	हो प्रकल्प 2004 सावन चलता. क्षमताय वृद्धी भितर फकत साधन सुविधांचे आधुनिकीकरण जातले. उदकांत वा जमनीर अतिरिक्त बांदकाम जावचेंना. आधुनिकीकरणा भितर फकत परिणामकारक एकात्मीक आनी कुशळ ए.पी.सी.एम. बसयतले. पर्यावरण संवेदनशील वाठारांचेर खंयचोच चडावत विपरीत परिणाम जावचो ना.
i.	वॅप्कोसान कंपनी सोयिस्कर असो प.प्र.त. अहवाल तयार केला आनी हो भ्रश्टाचार गोंयचेर थापला.	वॅप्कोस ही भारत सरकारचो उपक्रम आशिल्ली, एन.ए.बी.ए.टी.न मुल्यांकीत सल्लागार कंपनी आसा. ती प.रा.ह.ब. मंत्रालयान मान्यताय दिल्ली, साबार तरेच्या प्रकल्पांचो अणभव आशिल्ली कंपनी आसा. प.रा.ह.ब. मंत्रालयान जारी केल्ल्यो सं.सं. आनी मानक नियमावली आनी मार्गदर्शिके प्रमाण प.प्र.त. भोवच बारीकसाणेन तयार केला.
j.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	42. शंकर पोलजी, मुरगांव :	
a.	भौशीक सुनावणेची बसका वेवस्था करतल्यांक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	एम.पी.टी. अधिकारी उपस्थीत ना, म्हूण विरोध केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	केंद्र सरकार गोंयचेर प्रकल्प थापूंक शकना, हें आपूण केंद्र सरकाराक सांगूंक सोदता.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	मुरगांव तालुक्यांतल्या लोकांचेर सगळ्यांत चड प्रभाव पडला.	विधान सारकें ना.
e.	वास्कोची सद्याची अवस्था सरकारी अधिकाऱ्यांचे आनी राजकारण्यांचे कोळसो हाताळणेक परवानगी दिवपाचे चुकीक लागून जाल्ली आसा.	जाप दिवंक ना.
f.	बेकायदेशीरपण नदरेक हाडून दिवन लेगीत भौशीक सुनावणी चालू दवरपाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
g.	प्रकल्प-प्रस्तावक, अधिकारी आनी सरकारी अधिकारी हांणी हातमेळवणी केल्या.	जाप दिवंक ना.
h.	प्रकल्प प्रस्तावक आनी सरकारी आधिकाऱ्यां कडल्यान कसलीच जाप भौसाक मेळूंक ना.	भौशीक सुनावणी सोपता तेन्ना भोवसाच्या प्रस्नांक जापो दितले अशें अध्यक्षांनी सांगलें.

	आमदाराक दोशी थारायलो.	
z.	सड्या वयल्या लोकांक दिसाक फकत 1 वर उदक दितात जाल्यार प्रकल्प प्रस्तावकाक 7 लाख लिटर उदक कित्याक, हाची जाप विचारली.	5.ई दिल्ली आमची जाप पळोवची.
	43. जयेश शेटगांवकार, सडो :	
a.	थळाव्या लोकांक वास्कोंत कोळसो हाताळणी नाका.	जाप दिवंक ना.
b.	हे तरेच्या कंपन्यांनी गोंयकारांक रोजगार ना.	हें विधान सारकें ना. एस.डब्लू.पी.एल. टर्मिनलांक वावूरपी सुमार 60% कर्मचारी गोंयचे आसात.
c.	वास्कोकारांक कोळसो म्हणल्यार ल्हवू-ल्हवू जाल्ली वीख बाधा. हे वीख-बाधे खातीर आपूण पुलीस स्टेशनांत कागाळ करतलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	प्रकल्प प्रस्तावकाचो पूर्व इतिहास तपासल्या उपरांत गों.रा.प्र.नि. मंडळान भौशीक सुनावणेक वचपाक नाका आशिल्लें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	ही सुनावणी म्हणल्यार वेळ, पेशे आनी कश्टांचो अपव्यय आसा.	जाप दिवंक ना.
f.	वास्कोंतलो कोयराचो प्रस्न हाताळूंक गों.रा.प्र.नि. मंडळाक येस आयिल्लें ना, जाल्यार तें कोळसो प्रदुशण कशें सोडोवंक पावतलें? असो प्रस्न विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	44. श्री. चंद्रशेखर वस्त :	
	वास्कोंत कोळसो हाताळणी प्रकल्प जावचो वा ना, हें थारावपा खातीर ओपिनिअन पोल घेवचो, ह्या अध्यक्षांच्या विधानाक तांणी विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	45. श्री. टेर्रेन्स जॉर्ज :	
	कोर्टाच्या निकाला प्रमाण एकाच दिसा तीन वेगवेगळ्यो सुनावण्यो घेवंक मेळनात, अशें स्पश्टीकरण दिले. एम.पी.टी. चोप्रस्तावीत ड्रेजिंग उपक्रम वेगळो काडून पळोवपाक मेळना अशें एन.जी.टी.च्या निकाला वयल्यान दिश्टी पडटा.	जाप दिवंक ना.
	46. जॅसिंतो सौज, खारीवाडा, वास्को :	
a.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावाक पुरायपणान विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	वास्कोंतल्या भुरग्यांचे भलायकेक एम.पी.टी. आनी कोळसो हाताळणी हांकां लागून धोको निर्माण जाला.	4.c क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

c.	1000 परंपरीक नुस्तेकारांचेर आनी नुस्तेमारीचेर परिणाम जाला.	विधान सारकें ना.
d.	वास्कोकार सगळें कोळसो प्रदुशण भोंगतात.	विधान सारकें ना.
e.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या कोळसो हाताळणेच्या विस्ताराक मान्यताय दिवपाक कांयच रजांव ना.	जाप दिवंक ना.
f.	मंडळान केल्ले तपासणे विशीं स्पश्टीकरण मागलें आनी मंडळान कारवाय कित्याक करूंक ना? अशें विचारलें.	जाप दिवंक ना.
	मंडळाच्या अधिकाऱ्यान कंपनीचे प्रदुशण स्तर चड सांपडिल्ल्यान मंडळान कंपनीक उत्पादन 25% न उणें करपाचो आदेश दिल्ल्याचें सांगलें.	-
g.	प्र.प्र.क 5 द.ल. टनाचें उत्पादन 25% न उणें करपाचो आदेश दिल्लो आसतना विस्तारा खातीर भौशीक सुनावणी घेवपा फाटलें तर्कशास्त्र कसलें? असो प्रस्न केलो.	जाप दिवंक ना.
h.	एम.पी.टी.न आपले बर्थ थळाव्या लोकांक आनी न्हय भायल्या लोकांक भाडेपट्टेचेर दिवंक जाय.	जाप दिवंक ना.
i.	कोळसो म्हणल्यार एम.पी.टी.न आनी सरकारान वास्कोकारांक दिल्ले दुयेंस. ह्या प्रकल्पाक लागून कितल्या गोंयकारांक शिर्विसो मेळटल्यो?	आधुनिकीकरणाक लागून मनीसबळांत वाड जावची ना. पूण सद्याक सुमार 60% मनीसबळ थळावें आसा.
j.	गोंयकारांक जर तांतूतल्यान रोजगाराचे लाब ना जाल्यार, जे.एस.डब्ल्यू. च्या कोळसो हाताळणेक लागून वास्कोकारांचो छळ कित्याक जावंक दिवपाक जाय?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना. एस.डब्लू.पी.एल. टर्मिनलांक वावूरपी सुमार 60% कर्मचारी गोंयचे आसात.
k.	दर्या उदकाच्या प्रदुशणा विशीं मंडळान केल्ले कारवायेचे तपशील मागले.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
l.	कोळश्याक लागून नुस्त्याचें लेगीत संदुशण जालां आनी बारीक धुल्लाचेर नियंत्रण दवरपाक जायना.	
m.	कोळसो हाताळणेंतले ट्रक येरादारीक लागून वास्कोच्या रस्त्यांचेर येरादारीची कोंडी जाल्या. आपलो इश्ट अक्षय तारी हाका कोळसो व्हरपी ट्रकान धपको दिल्ल्यान जीव वगडावचो पडलो.	प्रकल्पाच्या सद्याच्या वा फुडारांतले येवजणेंत रस्त्या वयली येरादारी जावची ना.
n.	प्र.प्र.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक मान्यताय दिवंक तांणी खर विरोध परगटायलो.	जाप दिवंक ना.
47. सावियो कुरैय, मांगोर हील, वास्को :		

a.	आपणाक कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत करपाचो आसा. काल रातीं 11:30 वरांचेर कालची भौशीक सुनावणी आयज 10:30 वरांचेर चालू दवरपाचो निर्णय जाल्लो. पूण आयज चॅनलाचें खोलायकरण/ड्रेजिंग हया दुसऱ्या प्रकल्पा खातीर भौशीक सुनावणी सुचोवणे वरवीं निश्चीत जाल्या.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	देखून गों.रा.प्र.नि.मं.न आयजची सुनावणी स्थगीत करपी वा फुडें धुकलपी नोटीस काडूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	एम.पी.टी.चे आयजचे सुनावणेचेर भो. सर्वोच्च न्यायालयाची नदर आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	आयजची एम.पी.टी. प्रकल्पा विशींची सुनावणी भोवच महत्वाची आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	आयजची सुनावणेची वेळ वा तारीख स्थगीत केल्ली/फुडें धुकल्ली जाल्यार ते तरेची नोटीस काडप गरजेचें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	श्री. कुरैय हांणी उपस्थीत केल्ल्या कायदेशीर मुद्दयाक लागून कालची सुनावणी शनवार 29/04/2017 दिसा सकाळीं 10:30 वरांचेर फुडें चालू उरतली अशें जिल्ल्याधिकाऱ्यान सांगलें. कालची सुनाउणी शनवार 29/04/2017 दिसा फुडें धुकलपाच्या अध्यक्षाच्या निर्णयाक श्री. कुरैय हांणी विरोध परगटायलो.	-
	48. श्री. सुरेश बर्वे:	
a.	काल रातीं कालची सुनावणी आयज घेवपाचो निर्णय जाल्ल्या कारणान अध्यक्षाक ती शनवारा मेरेन स्थगीत करपाक मेळना.	जाप दिवंक ना.
	ताचेर अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्यान सांगलें, काल थारिल्ली सुनावणी आयज चालू दवरपाचो निर्णय सर्वमतान आशिल्लो, पूण जर लोकांक ती चालू दवरिल्ली नाका जाल्यार आपणाक कांयच हरकत ना.	-
	49. श्री. सावियो कुरैय, मांगोर हील, वास्को :	
a.	कालची सुनावणी फुडें धुकल्ली अशें हांवें म्हणूंक ना, जाल्यार कात राती थारिल्ले भशेन ती आयज चालू दवरची अशें म्हणलां, अशें विधान परतें येवन केलें. त्याभायर कालचे भौशीक सुनावणेचें इतिवृत्त वाचून ताका मान्यताय घेवंक जाय आनी ती 4 दिसा उपरांत घेवपाक	जाप दिवंक ना.

	मेळना.	
	एम.पी.टी. प्रकल्पा खातीर आयज थारिल्ली भौशीक सुनावणी आपूण एका वरा खातीर फुडें धुकलतां. आतां आपूण काल उतर दिल्लें प्रमाण कालची सुनावणी चालू दवरतां आनी ती जातकीच उपरांत आयज अधिसूचीत जाल्ली सुनावणी चालू जातली, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
	50. ऍड. आयरीश रॉड्रिगीश :	
a.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रतिनिधींनी आपली वळख करून दिवपाची विनवणी केली. प्रतिनिधींनी आपली वळख अशे तरेन करून दिली:	श्री. आर. आर. पात्रा, उपाध्यक्ष, जे.एस.डब्ल्यू. इन्फ्रास्ट्रक्चर. श्री. ऍन्थनी फर्नांडीस, युनिट मुखेली, एस.डब्ल्यू.पी.एल.
b.	ही सुनावणी भोवच असंघटीत पद्धतीन घेतल्या.	जाप दिवंक ना.
c.	भौशीक सुनावणी जावपी तिन्नय प्रकल्पां विशीं आपूण सामान्यपणान उलयतलों.	संबंदीत प्रस्नांक एस.जब्लू.पी.एल. जाप दितली.
	ह्या प्रकल्पाचो एम.पी.टी. वांटो आसा व्हय? अध्यक्षां कडल्यान स्पश्टीकरण मागलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	प्र.प्र. जे.एस.डब्ल्यू./एस.डब्ल्यू.पी.एल. आशिल्ल्यान एम.पी.टी. ह्या प्रकल्पाचो वांटो ना अशें अध्यक्षांनी सांगलें. ताचेर एम.पी.टी. ह्य प्रकल्पाचो नक्कीच वांटो आसा अशें तांणी सांगलें.	-
d.	एम.पी.टी. ह्या सुनावणेचो एक गरजेचो वांटो आसा.	जाप दिवंक ना.
e.	ही भौशीक सुनावणी एस.डब्ल्यू.पी.ची आसा, जे.एस.डब्ल्यू.ची न्हय. देखून एस.डब्ल्यू.पी.चे वतीन जे.एस.डब्ल्यू.चो प्रतिनिधी अधिकृती पत्र नासतना, खंयच्या आदाराचेर हाजीर आसा? असो प्रस्न विचारलो. अध्यक्षांनी जे.एस.डब्ल्यू.च्या प्रतिनिधीक भौशीक सुनावणी सोडपाचो आदेश दिवचो अशी मागणी तांणी केली.	जे.एस.डब्ल्यू.ची उपशाखा एस.डब्ल्यू.पी.एल. आसून लेगीत, जे.एस.डब्ल्यू.चो प्रतिनिधी आपूण जावन सकयल दैवलो.
f.	गोंयकारांचो एम.पी.टी. वयलो विस्वास उडिल्ल्यान कालचे आनी आयचे सुनावणेक व्हडा संख्येन लोक आयला.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	आपल्या स्कुलांत के 7 वर्सांचे चलयेचेर बलात्काराचे घडणुकेचेर एम.पी.टी.न कांयच	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

	कारवाय करूंक ना.	
h.	सद्याच्या राज्य सरकारान आमी स. माथानी सालदाना हांची परंपरा फुडें चलयतलें, अशें उत्तर दिल्लें पूण तांणी उत्तराक पाळो दिवंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	गोंय एक ल्हान राज्य आसा आनी नियोजना बगरच्या विकासाक लागून पर्यावरण आनी समाजीक स्थितीचें व्हडा प्रमाणाचेर नुकसान जायत आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
j.	राज्य सरकार गोंयाक काबार करपाक उठलां. गोंयकार नितळ हवा घेतात अशें दाखोवपाक ब्रिक्स परिशदे वेळार कोळसो येरादारी बंद दवरिल्ली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
k.	ब्रिक्स परिशदे वेळार कोळसो हाताळणी बंद कित्याक दवरिल्ली, असो प्रस्न एम.पी.टी.क विचारलो. नितळ हवा घेवपाचो हक्क फकत गरीब आनी शक्तीमान लोकांकच? असो प्रस्न केलो. हया नियोजनशून्य दूरदृश्टी नाशिल्ल्या विकासाक लागून गोंय काबार जातलें. एम.पी.टी.न गोंयचो विचार करचो, अशी विनवणी केली. अध्यक्षांनी लेगीत गोंयकारांक गृहीत धरचे न्हय, आपल्या पर्यावरणाचें नुकसान हाचे मुखार गोंयकार सोंसचे ना. अध्यक्ष नाशिल्ल्या गों.रा.प्र.नि. मंडळान अपक्षपाती आनी राजकारण्यांच्या इशाऱ्याचेर नाचनासतना वावरूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	51. एस. ए. कामत, चिखली :	
a.	कोलसो प्रदुशणाक लागून आपल्या घराचे जमनीर कोळश्याचो थर सांचला. एस.डब्ल्यू.पी.न 5 आनी 6 ए बर्थांचेर कोळसो हाताळणेंत विस्तार करपाचो थेट संबंद एम.पी.टी.न चॅनलाचें खोलायकरण करपा कडेन आसा. बर्थ 5 ए आनी 6 ए चेर जावपी प्रदुशण नियंत्रण दवरूं ना जाल्यार चॅनलाचें खोलायकरण म्हणल्यार पैशांची वाट लायिल्ले भशेन थारतलें. सद्या कंपनी म्होडटा त्या टना फाटल्यान रु.1/- च्या वांट्याक कंपनीक रु.8/- ते रु.10/- टना फाटल्यान कोळसो प्रदुशण आडावपा खातीर लागतले. गों.रा.प्र.नि. मंडळ आनी कोळसो कंपन्यांनी हातमेळवणी केल्या.	22 एफ.क दिल्ली जाप पळोवची.

b.	कंपनीन सी.एस.आर.चेर पैशे म्होडप बंद करचें आनी प्रदुशण नियंत्रणा खातीर पैश खर्च करून आमकां नितळ हवा घेवंक दिवचें.	एस.डब्लू.पी.एल. कडेन प्रदुशण नियंत्रणाचे सगळे उपाय सज्ज आसा आनी उपकरणां सुदारपाचो ते विचार करतात. सी.एस.आर.चो विचार स्वतंत्रपणान केला.
	52. कॅनडी आफोंसो, निमंत्रक, गोअन्स फॉर गोवा, केळशी :	
a.	गोंयाक कोळश्याची गरज आसा? गोंयकारांक रांदूंक वा गोंयच्या उद्देगाक कोळश्याची गरज आसा व्हय? ह्या प्रस्नाची जाप 'ना' अशी आशिल्ल्यान, बिगर गोंयकार कंपन्यांक फायदो करून दिवपाक गोंयचे मातयेचो वापर कित्याक करूंक दितात आनी दिवपाक जाय?	जाप दिवंक ना.
b.	मोपा विमानतळाची सुनावणी घेवपाच्या विशयांत गों.रा.प्र.नि. मंडळाक अपेस आयिल्ल्यान ते हो प.प्र.त. हाताळूंक शकचें ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
c.	अदानी आनी जिंदाल हांचीं बोल्सां भारपाक गोंयांत कोळसो हाडटात आनी परिणाम म्हणल्यार गोंयकार गोंयकारांक धुल्ल प्रदुशणाक लागून त्रास जाता.	जाप दिवंक ना.
d.	गोंयाक कोळश्याची गारज ना जाल्यार सद्याचे भौशीक सुनावणेची प्रक्रिया रद्द करपाक जाय.	जाप दिवंक ना.
e.	सद्याक एम.पी.टी. म्हणल्यार मनी पोर्ट ट्रस्ट जाल्या, एम.पी.टी.ची कोळश्याची रास धांपण्या बगर आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	कोळश्याचेर फवारणी करपाक चड उदक वापरतले ह्या एम.पी.टी.च्या विधानाक विरोध केलो. कोळसो हाताळणी आनी प्रदुशणाक लागून कॅन्सर दुयेंस जालां आनी तें दुयेंस वाडत आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	बर्थ 5ए आनी 6ए चेर वाडीव कोळसो हाताळणी जाल्ल्यान पुराय गोंय राज्यांत प्रदुशण जातलें.	3. ग, 3. ज आनी 35. ञ क दिल्ल्यो आमच्यो जापो पळोवच्यो.
h.	2012 वर्सा जेन्ना फकत 5 द.ल.ट. उत्पादन आशिल्लें तेन्ना हायकोर्टान बर्थ क्र. 10 आनी 11 बंद ल्करपाचो आदेश दिल्लो. आतां सुमारा भायर उत्पादन आशिल्ल्यान प्रदुशण नियंत्रणा भायर वतलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	गोंयांतल्या गांवांतल्यान कोळसो कर्नाटकांत व्हरतात. सगळो कोळसो कर्नाटकांतल्या कंपन्यां खातीर आशिल्ल्यान त्या त्या कंपन्यांनी कर्नाटकांत बंदरां स्थापन करप गरजेचें.	हो प्रकल्प म्हळ्यार 2004 सावन चालू आशिल्ल्या सद्याच्या पोर्ट टर्मिनलाचे आधुनिकीकरण.
j.	एम.पी.टी.चें ड्रेजिंग फकत देखभाली खातीर - हें केंद्रीय मंत्री श्री. नितीन गडकरी हांचें विधान	जाप दिवंक ना. हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

	फटीचें आसा.	
k.	मोंपा आंदोलना वेळार गोंयकारांक फटयल्ले पूण आतां मात ते फटोवन घेवचे नात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्ताक्का कडेन संबंदीत ना.
	53. श्री. एडवीन मास्कारेन्हस, चिखली :	
a.	माचयेर बशिल्ल्या लोकांनी आपापली वळख घडोवची, पदां सांगची. तांणी चर्चेंत कांयच वांटो घेवंक ना आनी भौसाच्या प्रस्नांक जापो दिवंक नात.	जाप दिवंक ना.
b.	हाचे आदल्या उलोवप्यान हाचे आदींच ती मागणी केल्ली आनी ती पुराय जाल्या. परतून परतून वळख घडयत रावल्यार ही सुनावणी केन्नाच सोंपची ना, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
c.	प.प्र.च्या प्रतिनिधीन भौशीक सुनावणेंत वांटो घेवंक जाय आनी लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवंक जाय प्र.प्र.चे वतीन अध्यक्ष वा मंडळान जापो दिवंक जायनात.	प्र.प्र.न लिखीत स्वरुपान जाप दिवपाचे मान्य केला.
d.	5ए आनी 6ए बर्थांच्या विकासाच्या मुळाधार अभ्यासांत गरज आशिल्ल्या उदकाचो तपशील दिवंक नात आनी फॉर्म-I भितर प्रदुशण आळाबंदा हाडपाक आनी नियंत्रीत करपाक 7 लाख लीटर उदक लागतलें अशें म्हणलां.	5.ई क दिल्ली आमची जाप पळोवची. ही माहिती पाठ 5 अनुभाग 5.3.2, पान क्र. 5-13 मजगती आयल्या (उदक पर्यावरण). पान 5-15 मजगती उदक संतुलन चित्र दाखयलां.
e.	लोडिंग/अनलोडिंगाचे प्रक्रियेंतले पांवडे सांगून कोळश्याचे गळटेक लागून धुल्ल तशेंच घनकण हवेंत पातळिल्ल्यान जावपी हवा प्रदुशणा विशीं सांगलें. देखीक बंदरांत एक दशलक्ष टन कोळसो येता, तांतूतलो 1% कोळसो हाताळणेंत गळटा, जाचें प्रमाण 10,000 द.ट. जाता, जातूंत मुरगांव तें बळ्ळारी जिल्ल्यांतल्या तोरंगळ्ळ मेरेनच्या रेल्वे येरादारी मजगतीं गळटी जाल्ल्या कोळशाचोय आसपाव जाता, तशेंच जहाजांत दसून उरिल्लो कोळसो-जो दर्यांत व्हांवन वता आनी प्रचंड प्रदुशण करता, ताचोय आसपाव जाता. हे विशीं कसलोच मुळाधार अभ्यास करूंक ना, जो प.प्र.त. अहवालांत आसपावप गरजेचें आशिल्लें.	विधान सारकें ना. कोळश्यांचें लोडिंग, अनलोडिंग आनी येरादारी यांत्रीक पद्दतीन केल्ल्यान हानी उणीं जातली. I एफ. आनी 3 सी.क दिल्ल्यो जापो पळोवच्यो. ट्रेनी धांपिल्ल्यान गळटी आडावटली. येरादारींतली हानी उण्यांत उणीं आसतली हाचें कारण थेट वाहतूक जातली. जायते फावटी बाश्पी भवनाक लागून ओलसाण उणी जाल्ल्यान हानी जाता. I डी.क दिल्ली जाप पळोवची.
	54. श्री. दिनेश डायस :	

a.	तांणें प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तावीत प.प्र.त. अहवालाचो फॉर्म-I आनी चॅनल खोलायकरणाच्या एम.पी.टी.च्या फॉर्म-I मदीं तुळा केली. पर्यावरणी संवेदनशीलताये विशींच्या भाग III कडेन तांणें प्र.प्र.चे लक्ष ओडलें. तांतूत प्रस्तावीत प्रकल्पाचे शिमे पसूनच्या 15 कि.मी. हवाई अंतराचो उल्लेख केला. तांतूत अनु.क्र.7 चेर प्रकल्पा लागी संरक्षण आस्थापनां नात, अशें म्हणला, तशेंच विमानतळ ना म्हणलां, जी एस.डब्ल्यू.पी.न मारिल्ली एक फटास आसा.	40. यूयू. क दिल्ली आमची जाप पळोवची. प्रकल्प कार्यान्वयनाक लागून प्रभाव जावपाचे नासले तरी अंतीम प.प्र.त. अहवालांत उल्लेख करतले.
b.	अनु.क्र.8 चेर प्रकल्पाच्या 15 कि.मी. त्रिज्या क्षेत्रांत दाटायेन लोकसंख्येचो वाठार ना अशें म्हणलां जाल्यार एम.पी.टी.च्या फॉर्म-I भितर कांय वाठारांचो उल्लेख केला.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	5ए आनी 6ए च्या फॉर्म-I भितर, अनु.क्र.9 चेर 15 कि.मी. अंतरा भोंवतणी शाळा वा धर्मीक इमारती ना, अशें म्हणला. पूण एम.पी.टी.च्या फॉर्म-I भितर कांय शाळा, हॉस्पिटलां आनी धर्मीक बांदकामां आसात अशें म्हणलां. हाचो अर्थ प्र.प्र.चो फॉर्म-I चुकीचो आसा, त्या भायर तांतूत ओल्ड गोवा चर्च हे जागतीक वारसो वास्तुंचोय उल्लेख ना.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
d.	कृशी, नुस्तेमारी, पर्यटन दीचीं संसाधनां आशिल्ले कसलेच वाछार ना अशें प्र.प्र.च्या फॉर्म-I भितर अनु.क्र. 10 भितर म्हणलां रूण एम.पी.टी. च्या फॉर्म-I भितर कांय पर्यटन थळां आसात. पूण अजापाची गजाल म्हणल्यार तांतूत चिखली खाडी आनी ग्रांड आयलँड, जंय अनुसूचीत प्रजाती सांपडल्यात तांचो उल्लेख ना.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	प्र.प्र. न भेटयल्ल्या फॉर्म-I च्या अनु.क्र. 11 भितर प्रकल्प थळाच्या 15 कि.मी. वाठारा भोंवतणी प्रदुशीत जावं येतात अशीं थळां ना, अशें म्हणला, जें चुकीचें विधान आसा. हाचें कारण बंदर आनी भोंवतणेचे वाठार फाटलीं कितलीशींच वर्सां प्रदुशणाचे अधीन आसात.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	प्र.प्र.न फॉर्म-I भितर दिल्ली माहिती फटीची आसा आनी तांणें दिल्ले स्विकृती पत्रा प्रमाण, मान्यताय/मंजुरी न्हयकारपाक जाय.	50. ए. दिल्ली आमची जाप पळोवची.

g.	राज्य सरकारान लादिल्लो ग्रीन सेस जे.एस.डब्ल्यू. आनी अदानीन कित्याक भरूंक ना? असो प्रस्न केलो.	ही बाब न्यायालयीन आसा.
	ताचेर मंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी हो प्रस्न न्यायालयांत आसा अशें सांगलें.	-
h.	प.प्र.त. अहवालांत कोळसो येरादारी करपी कार्गो धांपून व्हरतले अशें सांगलां. पूण रेल्वेच्या दुपेटीकरण प्रकल्पाचे तपासणे वेळार, कांसावली हांगा थळाव्या आमदासक आनी रेल्वे आधिकाऱ्यांक धांपपाची रीत फावोशी नाशिल्ल्याचें लक्षांत आयलें. रेल्वेन हाचो दोश एम.पी.टी. आनी एस.डब्ल्यू.पी.क दिलो.	प्रकल्पांत सद्या कार्गोची येरादारी रस्त्यवेयल्यान जायना आनी प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाच्या पांवड्यार लेगीत ती अपेक्षीत ना. सगळे वटेन दोरयेन सीलबंद करपा सयत, चल वॅगन लोडींग यंत्रणां वापरून लोडिंगाचो वावर सुरू जाले बराबर सगळ्या कार्गो व्हरपी रेल्वे दब्यांक धांपपाचो वावर पुराय जाता, जाका लागून कार्गोतल्यान भायर धुल्ल हुबूंक पावना. हो एक शुन्य-अपवाद आनी शून्य-दोंश उपक्रम जावन आसा, जो प्रकल्प प्रस्तावक भोवच कडकपणान राबयता.
i.	बंदरांत केपसायज जहाजां आयलीं जाल्यारूच बर्थ 5ए आनी 6ए चो विस्तार शक्य आसा. हे खातीर चॅनलाचें रुंदीकरण गरजेचें आसा. पूण फॉर्म-I भितर प्र.प्र.न चॅनल खोल वा रूंद करचे ना, अशें म्हणलां.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची. प्र.प्र.न चॅनलाचे सायडीन कसलेच तरेचें ड्रेजिंग वा खोलायकरण वा रुंदीकरण प्रस्तावीत करूंक ना.
j.	5ए आनी 6ए च्या विस्ताराचो एम.पी.टी.च्या चॅनल रुंदाय करणा कडेन संबंद आसा वा ना? अशें स्पश्टीकरण तांणी प्र.प्र. कडेन मागलें.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
k.	एम.पी.टी. च्या अहवालांत चिखली खाडीचे आनी ग्रांद आयलँडाचे परिस्थितिकी संवेदनशिलताये विशीं स्पश्टपणान उल्लेख आसा, जंय अनुसुचीत प्रजाती मेळटात. पूण प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या अहवालांत मात ना. अजापाचें म्हणल्यार दोगांयचो सल्लागार एकूच जावन आसा. एम.पी.टी.च्याअहवालांत आंतर-भरती प्रस्तर अधिक्षेत्रांचो - काब-द-राम, शिरदोन, दोनापावल खातीरचो उल्लेख आसा, पूण प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या अहवालांत मात ना.	ग्रांड आयलँडाचेर पोवळीं मेळटात ही गजाल प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.10, पान क्र. 3.61 मजगती सांगलें. पूण ग्रांड आयलँड हांगाच्यान सुमार 10 कि.मी.चेर आसा देखून हया वाठाराचेर विपरीत परिणाम जावपाची शक्यताय ना. ही माहिती प.प्र.त.च्या पाठ 3 अनुभाग 3.17.9, पान 3-61 मजगती दिल्या (पोवळीं, कासयो, इयुगॉन्गस, सी वीड, खारफुटी आदी).
l.	भौशीक माळा वयलें आस्थापन आशिल्ल्या वॅप्कोसान, सरकारा खातीरच्या प.प्र.त. अहवालांतली माहिती आनी प्रस्तूत प्रकल्पा (5ए आनी 6ए) खातीरच्या अहवालांतली माहिती हांचे भितर कशी तफावत आसा. हाचें स्पश्टीकरण दिवंक जाय.	हवा आनी उदक पर्यावरणाचेर प्राथमीक माहिती सल्लागारान त्याच वेळार एकठांय केल्ली आनी प्रभाव तपासणे खातीर पर्यावरणीय घटकांचें विश्लेशण करता आसतना गरज तत्वाचेर सादर केल्ली.
55. श्री. रुपेश शिंक्रे :		

a.	एम.पी.टी.न चॅनलाचें रुंदीकरण केलें जाल्यारूय व्हड जहाजांक प्रवेश दिवप शक्य जाल्लें, अशें प्र.प्र.न प.प्र.त. अहवालाच्या अनु.क्र. 22 चेर म्हणलां, अशें सांगलें. हाचे वयल्यान, प्रस्तूत प्रकल्पाचो एम.पी.टी.च्या चॅनल खोलायकरण आनी रुंदीकरणा कडेन कांयच संबंद ना हे विधान धादांत फट आशिल्ल्याचें सिद्ध जाता. प्रकल्प प्रस्तावकान प.प्र.त. भितर आपणें जें कितें सांगलां तेंच खरें आसा - म्हणल्यार तांच्या 5ए आनी 6ए विस्ताराचो चॅनल रुंदायकरण वा खोलायकरणा कडेन कांयच संबंद नाशिल्ल्याची जाप दिली.	22. एफ. क दिल्ली आमची जाप पळोवची. प.प्र.त. भितर उल्लेख केल्ल्या प्रमाण (पाठ 2 अनुभाग 2.2) सद्याच्या हाताळणी यंत्रणेची कुशळटाय वाडोवन तशेंच वाहक पट्ट्याची गती आनी रेक परतुपाचो वेळ सुधारून क्षमताय वृद्धी वाडयतले. अशे तरेन वाडीव क्षमताय हो बरे आनी चड कुशळ हाताळणी पद्धतींचो परिपाक आसतलो.
	56. श्री. सुदीप दळवी, म्हापशें :	
a.	अध्यक्ष आनी पॅनलान हाचे आदींच हया प्रकल्पाक मंजुरी दिवपाचें थारायलां.	जाप दिवंक ना.
b.	गोंयकार ऑफिसरांनी कंपनीक तेंको दिवंक फावना.	जाप दिवंक ना.
c.	कोळसो हाताळणी आनी येरादारी वाडली जाल्यार वास्कोकारांची जीण काबार जातली.	प्रकल्पांत सद्या कार्गोची येरादारी रस्त्यवेयल्यान जायना आनी प्रस्तावीत आधुनिकीकरणाच्या पांवड्यार लेगीत ती अपेक्षीत ना. 1डी, 4सी, 7सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
d.	फुडल्यो पिळग्यो कर्करोगाच्या दुयेंसांनी आनी हवा प्रदुशणाक लागून जावपी दुयेंसांनी त्रासांत पडटल्यो.	जहाजांतल्यान ओतिल्ली सामुग्री एकठांवपी हॉपर, जंक्शन-टॉवर आनी संवाहक वेवस्थांनी 'अक्वा डायन' उजक फवारणी यंत्रणा टर्मिनलाचेर बसयतले. फॉगिंग तंत्रज्ञानाचेर ही यंत्रणा चलत आशिल्ल्यान, सामको बारीक हवेंतलो धुल्ल लेगीत परिणामकारकतायेन आडावप हया पूर्वनियोजीत आकार आनी स्वरुपाच्या उदका थेंब्यांक लागून शक्य जातलें. ढिगाऱ्यांच्या यार्डांनी माल धांपिल्लो आसतलो आनी फकत राशी दाळपा वेळार आनी पुनर्वसना वेळारच तो उक्तो करतले, त्या वेळार ताचेर उदक फवारणी करतले आनी हे ओलसाणेक लागून स्राव पुराय रितीन मर्यादीत उरतले.
e.	फुडारांतल्या पर्यावरणी प्रस्नां खातीर सरकारी अधिकारी जापसाल थारतले.	जाप दिवंक ना.
f.	गोंयकार अधिकाऱ्यांच्या हया विचित्र वृत्तीक लागून जावपी गोंयचो वाडटो नाश थारावपाक पुराय गोंयभर आंदोलन जातलें.	जाप दिवंक ना.
	57. श्री. सुरेश बर्वे :	
	श्री. बर्वे हे हाचे आदींच (काल) उलयल्यात देखून तांकां परतून उलोवपाक मेळचें ना, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-

	58. लुमिया आल्मेदा, सुरावली :	
a.	कोळसो वाहतूक करपी येरादारीक लागून सुरावली गांवांतल्या लोकांक स्वसनाचीं दुयेसां जाल्यांत. जायत्या थळाव्या लोकांक अस्थमा जाल्ल्यान उपचार करचे पडटात.	प्रकल्पाचे सुरवेक सावन रेल्वे येरादारी चलता. सगळे वटेन दोरयेन सीलबंद करपा सयत, चल वॅगन लोडींग यंत्रणां वापरून लोडिंगाचो वावर सुरू जाले बराबर सगळ्या कार्गो व्हरपी रेल्वे दब्यांक धांपपाचो वावर पुराय जाता, जाका लागून कार्गोतल्यान भायर धुल्ल हुबूंक पावना. हो एक शुन्य-अपवाद आनी शून्य-दोश उपक्रम जावन आसा, जो प्रकल्प प्रस्तावक भोंवच कडकपणान राबयता.
b.	कोळसो हाताळणी आनी येरादारींत वाड जाल्ले कारणान गांवचीं गांवां नश्ट जातलीं.	58. ए. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	राज्य सरकार गोंयाक काबार करूंक उठलां.	जाप दिवंक ना.
	59. श्री. संकल्प आणोणकार, बायणा, वास्को :	
a.	आपूण प्रकल्पाचो निशेध करून आपलें मत मांडटां.	जाप दिवंक ना.
b.	कालच्यान ही भौशीक सुनावणी चालू आसा आनी सुनावणेचें पूर्वनियोजीत नाटक केल्ले भशेन दिसता.	जाप दिवंक ना.
c.	प्र.प्र.त. चें सादरीकरण केलां तांतूत फकत आत्मस्तुतीच दिश्टी पडटा.	जाप दिवंक ना.
d.	काल एके व्यक्तीन एम.पी.टी. आपल्यो कोळश्यांच्यो राशी उक्त्योच दवरता अशें सांगलां, ताचे वेल्यान हें सादरीकरण फट आसा, हें सिद्ध जाता.	4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
e.	वास्कोंत उदकाचो खर उणाव आसा आनी प्र.प्र. मात फकत धुल्ल दमना खातीर 7 लाख लीटर उदक वापरता. ताका लागून उदका खातीर वळवळे काडपी लोकांक पिवपाचें उदक लेगीत मेळना. देखून तें बंद करूंक जाय. गोंयांत हाडिल्लो कोळसो कर्नाटकांत धाडटात, देखून गोंयाक ताचो कांयच उपेग ना.	5. ई. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	कर्नाटकान आपली स्वताची साधनसुविधा विकसीत करपाक जाय.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
g.	आपली चली धरून हेर कांय भुरग्यांक कोळसो प्रदुशणाक लागून स्वसनाचें दुयेंस जालां.	1. ए. आनी 4. सी. क दिल्ल्यो आमच्यो जापो पळोवच्यो.
h.	वास्कोकारांक गोंयांत कोळसो हाताळणी नाका.	जाप दिवंक ना.
i.	प्र.प्र.न केल्ली स.स.ला. (सी.एस.आर) कांयच उपेगाची ना.	जाप दिवंक ना.

j.	प्र.प्र. कडल्यान वास्कोकारांनी सी.एस.आर.ची मागणी करूंक ना. सी.एस.आर. खाला कंपनीन 'हर्स व्हॅन' दिल्या, हाचो अर्थचप्रदुशण पोटांत गेल्ल्यान लोक मरतले, देखून त्यो दिल्यात असो जाता.	विधान सारकें ना. एस.डब्लू.पी.एल.न सी.एस.आर. उपक्रमा खातीर बजत तयार केला आनी नफ्यांतलो 2% वांटो ते सी.एस.आर.चेर खर्च करतात. तांतूत शाळां खातीर साधन सुविधा, अभ्यास-साहित्य, बागांचें सोबितीकरण, कोयरा पेटयो वाटप आनी स्वच्छ भारत अभियाना खाला टॉयलेटी बांदप हांचो आसपाव जाता. एस.डब्लू.पी.एल.न खंयचीच हर्स व्हॅन दान दिवंक ना.
k.	प्र.प्र.न ही भौशीक सुनावणी मुखार व्हरूंक जायना. प्र.प्र.च्या प्रस्तावीत प्रकल्पाक तशेंच गोंयांतले कोळसो हाताळपेंक आपूण पुराय रितीन विरोध करतां.	जाप दिवंक ना.
	60. डॉ. जोर्सन फर्नांडीस, लोटली :	
a.	कोळश्याच्या धुल्लांक खंयचीच सुरक्षीतताय ना. कोळश्याच्या धुल्लांत पारो, भीड, निकेल, क्रोमियम, रेडिओ आयजोटोप्स आनी हेर जड तशेंच विखारी धातू सांपडटात जे धुल्ला वांगडा पातळटात.	विधान सारकें ना. विधान खंयच्याच शास्त्रीय संदर्भा विणें केलां.
b.	बंदरांत येवच्या पयलीं कोळसो कार्गोची तपासणी कोण करता? जर पॅसेजरांची बॅग विमानतळाचेर तपासतात जाल्यार बंदराचेर येवच्या पयलीं कोळश्याचीं लेगीत तपासणी जावंक जाय.	जाप दिवंक ना.
c.	बारीक कोळसो-धुल्लाक लागून भलायकेचे साबार प्रस्न निर्माण जातात. बारीक धुल्लांत श्वसनीय धुल्ल अशेय म्हणटात. ताका लागून गंभीर स्वसनाचे आजार जातात.	विधान सारकें ना. 1. ए., आनी 4. सी. दिल्ल्यो आमच्यो जापो पळोवच्यो.
d.	हो कोळसो सोंसप भोवच धोकोदायक आसता.	विधान सारकें ना.
e.	वास्कोच्या हवेंतल्या कोळश्याचे घनकण तपासूंक गों.रा.प्र.नि. मंडळ सज्ज आसा?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	मंडळ हया विशयाचेर सोत अभ्यास करतलें, अशें मंडळाच्या अदिकाऱ्यांनी सांगलें.	-
g.	हया पांवड्यार मंडळा कडेन हवेंतल्या कोळसो-धुल्लाचें प्रमाण निश्चींत करपाक मंडळ असमर्थ आसा हें धक्कोदायक आसा.	जाप दिवंक ना.
h.	घातक कोयर प्रदुशणाक लागून कुंकळळी हांगा जाल्लें प्रदुशण नियत्रीत करपाक मंडळाक अपेस आयलां. तशेंच तरेन वास्को शारांतलें कोळसो प्रदुशण आडावप मंडळाक जावचें ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.

i.	कोळश्याच्या बारीक धुल्लाची तपासणी सेगीत करपाक जाय आनी तपासणेचे तपशील जाहीर करपाक जाय.	भौ.ह.गु. प.प्र.त.त दिल्या.
j.	कोळसो धुल्ल तपासणे खातीर एक यंत्रणा नियुक्त/स्थापन करपाक जाय. पूर्वनिश्चीत हॉस्पिटलांनी प्राधिकरिणी नियुक्त करून कोळश्या कडेन संबंदीत दुयेंसांचेर उपचार करपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
k.	गौयांत मनविमनस्कतायेच्यो (ऑटिस्टिक) केशी वाडत आसात, तांचो सोद घेवपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
l.	कोळसो प्रदुशणाक लागून जाल्ल्या पिवपाच्या उदकाच्या प्रदुशणाचो अभ्यास गौ.रा.प्र.नि.मं.न करूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
m.	कोळसो धुल्लाक लागून हवेंत पाऱ्याचो स्राव जाता. भिडाचे 114 पावंड आनी कॅडमियमाचे 4 पावंड जर मातवी पेशींत गेले जाल्यार मज्जा संस्थेचेर परिणाम जावं येता.	जाप दिवंक ना. एस.डब्लू.पी.एल. निर्धारीत मर्यादे भितर प्रदुशण उरतलें हाची खात्री करता.
n.	कोळसो प्रदुशणाक लागून मज्जासंस्था, कार्डिओ व्हॅस्क्युलर तशेंच श्वसन-यंत्रणेक बादा येता.	जाप दिवंक ना.
o.	कोळसो प्रदुशणाक लागून काळजाच्या आताकांची संख्या वाडत आसा.	जाप दिवंक ना.
p.	हवा नियमांत सुदारणा करपाची गरज आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
q.	हवा आनी उदक अधिनियमात बदल करून मंडळान कोळसो धुल्ल प्रदुशण नियंत्रणांत हाडूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
r.	कोळसो प्रदुशण गुरवार बायलेन सोंसलें जाल्यार नव्यान जल्मल्ल्या भुरग्या भितर दोश निर्माण जाता.	जाप दिवंक ना.
s.	कोळसो प्रदुशणाक लागून माती आनी उदक प्रदुशण जाता.	जाप दिवंक ना.
t.	कोळसो प्रदुशणाक लागून उद्देगीक ब्रॉकिटीस निर्माण जाता.	जाप दिवंक ना.
u.	धुल्ल सोंसणे काळ आनी कोळश्याचो वापर उणो करप अशें धोरण प्र.प्र.न. राबोवंक जायवा कोळसो हाताळणी थारावपाक जाय.	वै.सु.उ. (मास्क, गॉगल, संरक्षक कपडे) अती धुल्ल वाठारांत वावुरपी कामगारांक दितात. चड पयसुल्ल्या वाठारांनी वेवसायीक धोके ताळपा खातीर एच.ए.पी.ए. गाळण्यो दितात.
v.	विश्लेशण हें अग्रगामी आसता.	विधान सारकें ना.

w.	'पेस्टेली' (राजकी, अर्थीक, समाजीक, तकनिकी, पर्यावरणी विधी आनी उद्देगीक धोरण). अशें पेस्टेली विश्लेशण वा अभ्यास कोळश्याचें येरादारी वेंळार जावपी धुल्ल सावां खातीर करूंक ना.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
x.	दरेके वेगनींतल्यान सुमार 300 कील कोळसो गळटा, जाल्यार मुखा वयले येरादारीक लागून जावपी गळटी बेसुमार जातली.	विधान सारकें ना. रेल्वेचें वॅगन्स पुराय धांपिल्ल्यो आशिल्ल्यान गळटी आडावता.
y.	कोळश्यांत जड धातू आसता आनी ताच्या प्रभावाची तपासणी जायना.	विधान सारकें ना.
z.	ह्या गजालींच्या अभावान, कोळसो हाताळणेक मंजुरी दिवंक जायना.	जाप दिवंक ना.
aa.	गोंय सरकाराचें कसलेंय उद्देगीक धोरण आसा ? असो प्रस्न केलो. उद्देगीक धोरण तयार करतना भौशीक सहभाग आसप गरजेचें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	61. श्री. अभिजीत प्रभुदेसाय	
a.	हे भौशीक सुनावणेचें संकलन जावंक जाय आनी इतिवृत्ताक मान्यताय दिवंक जाय. भौसान विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो प्र.प्र.न भेटोवंक जाय.	जाप दिवंक ना.
	ताचेर अध्यक्षांनी ही सुनावणी आजून पुराय जावपाची आसा, इतिवृत्त वाचपाचें आसा, अशें सांगलें.	-
	62. श्री. ओलेंन्सियो सिमोयश	
a.	सुनावणेंत उलोवपा खातीर नांव बरोवपाचे रितीक तांणी विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	तांणी कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो	जाप दिवंक ना.
	63. श्री. परशुराम शेट्ये, वास्को	
a.	कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत करून, भौशीक सुनावणेंत उलोवपाच्या लोकांच्या स्वातंत्र्याचेर अध्यक्ष मर्यादा घालपाक शकना, असो मुद्दो उपस्थीत केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	प.प्र.त. अधिसुचोवणेंत नांवां बरोवपाची प्रक्रिया ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	अध्यक्षांच्या वर्तना विशीं खर विरोध केलो आनी प.प्र.त. अधिसुचोवणेचें उल्लंघन जालां, अशें सांगलें. सद्याचो प्रस्ताव भायर मारापक जाय. आपणें उपस्थीत केल्ल्या हरकतीचें दृश्यचित्रण जावंक ना.	जाप दिवंक ना.

	हे सुनावणेचो शेवट जावपाचे नदरेन उलोवप्यांनी आपलीं नांवां नोंद करप गरजेचें, जाका लागून तांकां 29/04/2017 दिसा उलोवपाक मेळटलें. ही सुनावणी 29/04/2017 मेरेंन स्थगीत केल्या अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
d.	श्री. शेट्ये हांणी ही सुनावणी 29/04/2017 मेरेंन फुडें धुकलपाच्या अध्यक्षांच्या निर्णयाक आव्हान दिलें. तशे तरेंन सुनावणी फुडें धुकलपाक कायद्यांत तरतूद ना. अध्यक्षांची ही कृती म्हणल्यार भौसाचो अपमान. भौशीक सुनावणेक उलोवपाच्या लोकांच्या हक्काची राखण जावपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेंन संबंदीत ना.
e.	प्र.प्र.वा मंडळ हांचे कडल्यान कसलीच चूक जाली जाल्यार भौशीक सुनावणी फुडें धुकलूं येता. तांणी हे विशीं सविधानीक मुद्दो उपस्थीत केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेंन संबंदीत ना.
f.	आयजचे भौशीक सुनावणेक उलोवपाचो लोकांचो हक्क लोकांचो न्हयकारला.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेंन संबंदीत ना.
g.	अध्यक्षांनी ही सुनावणी 29/04/2017 मेरेंन फुडें धुकलपाच्या निर्णयाक लागून प.प्र.त. अधिसुचोवणेचें उल्लंघन जालां. अध्यक्षांनी आपणाक जबरदस्तेन माचये वयल्यान सकयल दैंवोवन उलोवपाच्या हक्का पसून वंचीत केला. आपल्या फुडल्या प्रस्नांक लेगीत जाप मेळूंक नाः 1) जे उलोवंक सोदतात तांकां नांवां कित्याक दिवची पडटात? 2) ही सुनावणी 29/04/2017 दिसा खंयचे तरतुदी प्रमाण फुडें घुल्ली?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेंन संबंदीत ना.
	64. संदीप दळवी	
	अध्यक्षांनी संदीप दळवी हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	65. लुमिना आल्मेदा	
	अध्यक्षांनी लुमिना आल्मेदा हांकां उलोवपाक आफयले	ती हाजीर नाशिल्ली.
	66. संकल्प आमोणकार	
	अध्यक्षांनी संकल्प आमोणकार हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	67. एडवीन मास्कारन्हेस	
	अध्यक्षांनी एडवीन मास्कारन्हेस हांकां	ते हाजीर नाशिल्ले.

	उलोवपाक आफयले	
	68. दिनेश डायस	
	अध्यक्षांनी दिनेश डायस हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	69. जुजे फिलिप डि'सोजा	
a.	तांणी कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो. हे भौशीक सुनावणेक विरोध करपी सगळे लोक भायले हया एम.पी.टी. च्या अध्यक्षांच्या विधानाचो तांणी निशेध केलो. हया विधानाक लागून गोंयकारांचो अपमान जाला देखून तीं उतरां फांटी घेवपाक जाय आनी तांणी गोंयकारांची माफी मागूंक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
b.	एम.पी.टी. चे अध्यक्ष गोंयकारां मदीं फूट घालूंक सोदतात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	सुनावणेच्या अध्यक्षांनी एम.पी.टी. च्या प्रतिनिधींक लोकांच्यो भावना एम.पी.टी.च्या अध्यक्षां मेरेन पावोवपाची सुचोवणी केली.	-
	70. सावियो कुरैय, मांगोर हिल, वास्को.	
a.	कालचे भौशीक सुनावणेक जिल्ल्याधिकारी, दक्षिण गोंय हाजीर नाशिल्ले, अशें तांणी सांगले.	जाप दिवंक ना.
b.	एम.पी.टी. अध्यक्षांच्या विधानाक तांणी विरोध केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	प्र. प्र. आनी लोक हांचे मदलो संवाद म्हणल्यार भौशीक सुनावणी.	जाप दिवंक ना.
d.	एम.पी.टी. न जर विधान फाटीं घेतलें ना जाल्यार पुराय भौशीक सुनावणी फुकट वता आनी तिका कांयच अर्थ उरना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	भौशीक सुनावणी चालू आसतना, अध्यक्षांनी प्रसिद्धी पत्रक काडलां, ताचे वेल्यान हे भौशीक सुनावणेच्या प्रक्रियेचें उल्लंघन जालां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	वास्को भायल्या लोकांक हे सुनावणेंत उलोवपाक परवानगी दिल्ले खातीर सभेच्या अध्यक्षांक एम.पी.टी. चो अध्यक्ष विरोध करता.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	एम.पी.टी. न. त्या विधाना खातीर लोकांची माफी मागची. एम.पी.टी. अदानी आनी जिंदाल हांच्या इशाऱ्यांचेर नाचता, अशें तांणी सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

h.	एक जबाबदार गोंयकार हया नात्यान, प्रकल्प प्रस्तावकाच्या उपक्रमांक लागून निर्माण जाल्लें कोळश्याचें सुक्षीम घनकण लोकांच्या फुफ्फुसांनी वतात आनी ताका लागून भलायकेचे प्रस्न उप्रासतात, अशें तांणी सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	71. श्री. उद्धव पोळ	
	अध्यक्षांनी श्री. उद्धव पोळ हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	72. श्री. नाजिर खान	
	अध्यक्षांनी श्री. नाजिर खान हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	73. श्री. एडवीन डिसोजा, वास्को, खारेवाडो.	
a.	आपूण एक बाधीत व्यक्ती आसां.	जाप दिवंक ना.
b.	आपूण निशेधा सयत सादरीकरण करतां. लोकांक मुक्तपणान उलोवपाची परवानगी ना.	जाप दिवंक ना.
c.	खारीवाडया वयल्या लोकांक कोळसो खावपाची आनी पिवपाची सक्ती जाल्या.	जाप दिवंक ना.
d.	प्रकल्प प्रस्तावका कडेन सुखेची परवानगी नासतना लेगीत विस्तारा खातीर परवानगी कशी दिवं येता?	एस.डब्लू.पी.एल.न प.रा.ह.ब.मं. क्षमताय वृद्धी खातीर सं.सं. मेळोवपा खातीर अर्ज केला. ही भौशीक सुनावणी त्या अतिरिक्त सं.सं.चे पुर्तताये खातीर घडोवन हाडल्या. वैधानीक मंजुऱ्यो मेळ्ळ्या उपरांतच प्रत्यक्ष कामांक सुरवात जातली.
e.	प्र.प्र.न सगळी कोळसो हाताळणी बंद करची. प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
	74. श्री. जॅक डिसिल्वा, गोंयकार, वास्को	
a.	आपूण निशेधा सयत उलयतां.	जाप दिवंक ना.
b.	आपलें घर दर्यादेगेर आसा.	विधान सारकें ना.
c.	आपूण गोंयकार आसा, भायलो न्हय.	जाप दिवंक ना.
d.	काल एम.पी.टी. च्या अध्यक्षाक सुनावणेक येवन लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवपाची विनवणी केल्ली. पूण आपूण व्यस्त आसा, अशें सांगून तो आयलो ना. पूण प्रसिध्दी पत्रकां काडपाक मात ताका वेळ आशिल्लो.	जाप दिवंक ना.
e.	एम.पी.टी. च्या अध्यक्षान गोंयकारांचो अपमान केला.	-
f.	सद्याची कोळसो हाताळणी तशेंच 5 ए आनी 6 ए बर्थ हांकां लागूनचें प्रदुशण हाताभायर गेलां आसतना प्र. प्र. क विस्तारा खातीर कशी परवानगी दिवं येता?	विधान सारकें ना.
g.	एक जागृत गोंयकार म्हूण कोळसो हाताळणेक लागून निर्माण जाल्ल्या बारीक धुल्लाक लागून लोकांक फुफ्फुसाचीं दुयेसां जातात.	1. ए. आनी 4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

h.	विकास अशें विस्ताराचें एक कारण एम.पी.टी.न दिलां. पूण लोकांचे वेवसाय आनी जिवीत हांच्या कुस्ताचेर विकास जावपाक शकना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	कोळसो प्रदुशणाक लागून उदाकांतलें मर्क्युरी (पारो) चें प्रमाण वाडिल्ल्यान नुस्त्याचें संदुशण जाता, जें लोका खातात.	विधान सारकें ना.
j.	प्र.प्र. आपल्या उपक्रमाक लागून प्रदुशण करता. हें मंडळान मान्य केलां आनी तांकां तांचें उत्पादन 25% न उणें करपाक सांगलां.	
k.	प्रदुशण उणें करचें अशें मंडळान प्र.प्र.क कितले फावट सांगलां? प्र.प्र.न तांचें आदेश मानल्यात व्हय ? अशे प्रस्न विचारले.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
l.	ताचेर जाप दितना प्र.प्र.चे प्रदुशण स्तर चड नोंद जाल्ल्यान तांकां प्रमाण उणें करपाचो आदेश दिला, अशें मंडळाच्या प्रतिनिधीन सांगलें.	-
m.	मंडळआन एम.पी.टी. आनी प्र.प्र.क प्रदुशणाचे स्तर चड आशिल्ल्यान उद्देग पुराय थांबोवपाचो आदेश दिवचो.	जाप दिवंक ना.
n.	मंडळाचे दिरंगायेक लागून वास्कोकारांची भलायकी इबाडटा.	जाप दिवंक ना.
o.	वास्कोकारांक भायले म्हणपाच्या एम.पी.टी.च्या अध्यक्षांच्या विधानाचो विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
p.	कोळसो प्रदुशणा आड प्र.प्र.चेर मंडळान बेगोबेग कारवाय करची.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
q.	जर आपणें कर्तव्य सारकें केलें जाल्यार तुमकां मान बागोवची पडना.	जाप दिवंक ना.
	75. ग्रासियस कुतिन्हो, वास्को	
a.	ओल्ड क्रॉस फिशिंग सोसायटीचो सचिव.	
b.	आपणाक जायतें उलोवपाचें आसा, पूण वेळेची मर्यादा 5 मिनटां आशिल्ल्यान चड उलोवपाक मेळना.	जाप दिवंक ना.
c.	वास्कोंतले कोळसो हाताळणेक विरोध केल्लो.	जाप दिवंक ना.
d.	आपलो इश्ट फुफ्फुसाच्या दुयेंसाक लागून मेलो. आपलो बापूय लेगीत फुफ्फुसाच्या कॅन्सराक लागून मेलो.	जाप दिवंक ना.
e.	वास्कोंत उदकाचो उणाव आसा, पूण एम.पी.टी. मात 7 लाख लीटर उदक वापरता.	5. ई दिल्ली आमची जाप पळोवची.
f.	वास्कोंतल्या कोळश्यां-ट्रक-येरादारीचेर प्र.नि.मं.चें नियंत्रण आनी देखरेख ना. आपणाक वास्कोंतल्या रस्त्यांचेर कोळसो दिश्टी पडटा.	35. ज्र क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

g.	वास्को खाडींत कोळसो भरिल्ल्यान नुस्तेंमारी उणावल्या आनी देखून मंडळाक कारवाय करपाची विनवणी केली.	15.ट आनी 15. त क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
h.	वास्कोंत कोळसो प्रदुशण जाल्ल्यान नुस्तेकारांक वास्कोंत रावपाक मेळना आनी देखून तांकां रोजगार मेळना. वर्स दोन वर्सां भितर तांकां वास्को सोडचें पडटा.	जाप दिवंक ना.
i.	खूब उलोवपाचें आसा पूण वेळ सोंपिल्ल्यान थांबतां.	जाप दिवंक ना.
j.	ड्रेजिंग विशयांतली सुनावणी केन्ना सुरू जातली? आपणाक ते वेळार परतो येवन उलोवपाचें आसा, अशें तांणी अध्यक्षांक विचारलें. ताचेर अध्यक्षांनी ती सुनावणी दनपरां 2:45 वरांचेर सुरू जातली, अशें सांगलें.	जाप दिवंक ना.
k.	रजिस्टरांत नोंद जाल्ले प्रमाण उलोवप्यांची नांवां वाचून दाखोवपाची मागणी केली.	-
l.	ताचेर अध्यक्षांनी ताका ड्रेजिंग सुनावणे वेळार 2:30 वरांचेर सुरवेक उलोवपाक परवानगी दितले, म्हूण जाप दिली.	जाप दिवंक ना.
	76. सुरेश नायक, वास्को :	
a.	जे.एस.डब्ल्यू., अदानी हांच्या एम.पी.टी.न मान्यताय दिल्ल्या उपक्रमाक लागून जावपी कोळसो प्रदुशणाक खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
b.	धुल्ल प्रदुशणाक लागून जायते अपघात घडटात. धुल्लाक लागून मुखार दिसपाचें प्रमाण उणें जाता आनी अपघात घडटात.	1. ए., 1. घ आनी 4. सी. क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	जिल्ल्याधिकारी आनी मंडळ कोळसो धुल्ल प्रदुशण थारावपाक कांय कारवाय करिना. मंडळान कितें कारवाय केल्या? असो प्रस्न विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	कोळसो हाताळपी कंपन्यांक तांचे उत्पादन 25% उणें करपाचो आदेश दिलो, अशी जाप मंडळान दिली.	प्र.प्र.न जापे सयत निर्देशांची गरजेची पुर्तताय केल्ल्यान जाप दिवंक ना.
e.	धुल्ल प्रदुशणाक लागून वास्कोकारांक मास्क वापरचे पडटात. लोकांक मंडळ मास्कांची पुरवण करतलें व्हय, ताची जाप तांणी मंडळाक विचारली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	आयजचे तारखेक कोळसो धुल्ल प्रदुशण उणें जालां व्हय? असो प्रस्न मंडळाक तांणी हालींच वास्कोंत केल्ले भों.ह.गु. तपासणे वेल्यान विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

g.	मंडळाच्या प्रतिनिधींनी कांयच जाप दिवंक ना, हाचो अर्थ तांणी तांचें कर्तव्य करूंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
h.	भौशीक सुनावणेंत लोकांचे मागणे प्रमाण मंडळान केल्ल्या ध्वनी-प्रदुशणाचे तपासणेच्या अहवाला प्रमाण, उद्देग सुरू आसतना ध्वनी-प्रदुशण स्तर 75 डीबी(ए) आशिल्ले नोंद जाल्ल्यात, जे दोनूय उद्देग चालू आसल्यार मर्यादा हुपतले.	उल्लेख केल्ले माहिती संकलनाची तारीख, वेळ आनी थळा विशीं आमकां खबर ना. देखून आमी जाप दिवपचें टाळटात.
i.	मंडळाच्या प्रतिनिधीक लोकांनी विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दिवपाचो आधिकार आसा? असो प्रस्न केलो. ताचेर अध्यक्षांनी तांकां तसो अधिकार आसा, अशें सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
j.	मंडळ जापो दिवंक न्हयकार दिवन अदानी आनी जिंदाल हांकां तेंको दिता.	-
k.	पुराय वेवस्था अपेशी थारल्या.	जाप दिवंक ना.
l.	अध्यक्षांक ही भौशीक सुनावणी घेवंक आयलीना.	जाप दिवंक ना.
m.	ताचेर अध्यक्षांनी आपूण ही सुनावणी प.प्र.त. अधिसुचोवणे प्रमाण घडोवन हाडटा, अशें सांगलें.	जाप दिवंक ना.
n.	खंयच्या कायद्या प्रमाणलोकांक फकत 5 मिनटां उलोवप दिलां? असो प्रस्न विचारलो.	-
	ताचेर जाप दितना नांव नोंदणी केल्या त्या सगळ्या लोकांक उलोवंक मेळचें म्हूण आपूण अशें केलां, अशें अध्यक्षांनी सांगलें. त्याभायर लिखीत निवेदनां भेटोवं येतात - तांणी फुडें सांगलें.	-
	77. श्री. पीटर आंद्राद	
	हे भौशीक सुनावणेच्या पयल्या दिसा, म्हणल्यार 26/04/2017 दिसा उलयल्यात, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
	78. श्री. कस्तोदियो डि'सौजा, खारीवाडो.	
a.	ओल्ड क्रॉस सोसायटीचे अध्यक्ष आनी 'गोवा अगेन्स्ट कोल' चे निमंत्रक	
b.	आपल्याक उलोवपाक कितलीं मिनटां मेळटली? असो प्रस्न विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	अध्यक्षांनी तांका 6 मिनटां मेळटलीं अशें सांगलें.	-
d.	उलोवपाचे वेळेचेर मर्यादा घालपाच्या अध्यक्षाच्या आदेशाचेर कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

e.	आपूण दरेकल्याक उलोवपाक 5-6 मिनटां वेळ दिवपाचो आदेश दिल्ल्याचें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
f.	हो आदेश आयजच्या दिसाची सुनावणी चालू जातना आपणें काडिल्ल्याचें सांगलें. हो आदेश खंयच्या कायद्या खाला काडला? असो प्रस्न तांणी केलो.	जाप दिवंक ना.
g.	अध्यक्ष आपल्या प्रस्नाक जाप दिना आनी आपल्याक 6 मिनटां उलोवपाची सक्ती करता, अशें तांणी सांगलें.	जाप दिवंक ना.
h.	लोक आपल्यो अडचणी/प्रस्न घेवन उलोवपाक आयल्यात, तांका 5 मिनटांची मर्यादा पावना, अशें तांणी सांगलें.	जाप दिवंक ना.
i.	अध्यक्षांनी वेळेचेर मर्यादा घालपाचो आदेश लिखीत स्वरुपांत दिवपाची आनी आता मेरेनचें इतिवृत्त वाचून दाखोवपाची मागणी तांणी केली.	जाप दिवंक ना.
j.	व्यासपिठाचेर तीन व्यक्ती कश्यो बसल्यात काय म्हूण तांणी विचारलें.	जाप दिवंक ना.
k.	जिल्ल्याधिकारी वा अतिरिक्त - जिल्ल्याधिकारी आनी गों.रा.प्र.नि. मं. चो प्रतिनिधी सुनावणेचें अध्यक्षपद करतात अशें अध्यक्षांनी सांगले. अतिरिक्त-जिल्ल्याधिकारी आपणाक इतिवृत्त नोंद करपाक मदत करता, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
l.	हे भौशीक सुनावणेचो अध्यक्ष कोण? असो प्रस्न तांणी विचारलो.	जाप दिवंक ना.
m.	अतिरिक्त जिल्ल्याधिकाऱ्यान ही भौशीक सुनावणी बरे तरेन चलयल्ली. आयज जिल्ल्याधिकारी आडखळी उत्पन्न करता आनी वेळेचेर मर्यादा घालता, अशें तांणी सांगलें.	जाप दिवंक ना.
n.	तांचो उलोवपाचो वेळ सोंपिल्ल्यान तांणी सकयल देंवचें असो आदेश अध्यक्षांनी दिलो.	-
	79. श्री.आरकान्झ गुरजांव.	
	अध्यक्षांनी श्री.आरकान्झ गुरजांव हांकां आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	80. श्रीमती पुजा मित्रा गुरजांव .	
	अध्यक्षांनी श्रीमती पुजा मित्रा गुरजांव हांकां आफयले	ती हाजीर नाशिल्ली.
	81. श्री. देवू काणकोणकार	
	अध्यक्षांनी श्री. देवू काणकोणकार हांकां आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	82. श्री. एनरिको डायस	

	अध्यक्षांनी श्री. एनरिको डायस हांकां आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	83. श्री. साल्वादोर फर्नांडीस	
	अध्यक्षांनी श्री. साल्वादोर फर्नांडीस हांकां आफयलें	तें हाजीर नाशिल्ले.
	84. श्रीमती प्रिसिलिया फर्नांडीस	
	अध्यक्षांनी श्रीमती प्रिसिलिया फर्नांडीस हांकां आफयले	ती हाजीर नाशिल्ली.
	85. श्री. कस्तोदियो डि'सौज	
a.	मॅक्सी कुरैय हांकां सुनावणेंत उलोवपाक आफयतकीच तांकां वाट मेकळी करुन दिवपाक न्हयकार दीत तांणी पोडियम सोडूंक न्हयकार दिलो. अध्यक्षांनी तांकां चडावत 5 मिनटां दिवन ते उपरांत पोडियम सोडपाचो आदेश दिलो.	जाप दिवंक ना.
b.	खंयचे तरतुदी खाला अध्यक्षांनी उलोवप्यांचे वेळेचेर मर्यादा घातल्या तें जाणून घेवपाक प्रस्न केलो.	-
c.	तांणी उलोवपाक 2 वरांचो वेळ मागलो, पूण अध्यक्षांनी ताका फकत 5 मिनटां मेळटलीं, अशें सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	आपूण पोडियम सोडचो ना आनी अध्यक्षांनी आपणाक बळजबरीन पयस काडचें पडटलें, अशें. तांणी सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
e.	एम.पी.टी. च्या अध्यक्षांनी भौशीक सुनावणेक भायले लोक येतात आनी वास्कोकारांचो प्रकल्पाक विरोध ना, अशें वक्तव्य केलां, तें तांणी न्हयकारलें आनी आपूण वास्कोकार अशें सांगलें. भौशीक सुनावणेक एम.पी.टी. चे प्रतिनिधी कोण तें जाणा जावपाची इत्सा परगटायली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	ताच्या विधानाचें खरेंपण करपाक एम.पी.टी. च्या अध्यक्षाकसुनावणेंक आफोवन घेवपाक जाय अशी मागणी केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	कलेक्टरान आदेश जारी करुन ताका काडून उडोवपाची मागणी केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
h.	दक्षिण गोंयच्या जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी आयजचे सुनावणेक हजर रावन कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न निर्माण केला.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
i.	सगळ्या लोकांक उलोवपाची समान संद दिवंक जाय. ही सुनावणी गंभीर आसा आनी वास्को आनी गोंयच्या फुडारा कडेन संबंदीत आसा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

j.	लोकांक आपल्यो हरकती सादर करपाक 02/05/2017 मेरेन दिवपी आदेश जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी खंयचें तरतुदी खाला काडला? तें सांगपाची विनवणी केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्ताक्का कडेन संबंदीत ना.
k.	आपूण प. प्र. त. अधिसुचोवणें प्रमाण घालून दिल्ली प्रक्रिया पाळटां अशें अध्यक्षांनी सांगलें. सगळ्या लोकांक उलोवपाक समान संद मेळची म्हूण आपणें वेळ निर्धारीत केल्या अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	जाप दिवंक ना.
l.	आपलें सादरीकरण करुंक प्रकल्प प्रस्तावकान कितलो वेळ घेतिल्लो, तें जाणून घेवपाची मागणी केली. कलेक्टर प्रकल्प प्रस्तावक आनी लोक हांचे मदीं भेद करता, अशें तांणी सांगलें.	-
m.	उलोवपाचेर 5मिनटांची मर्यादा भौशीक सुनावणेच्या पयल्या दिसाच घालपाक जाय आशिल्ली. काल अतिरिक्त कलेक्टरान उलोवपाची मर्यादा 5 मिनटां, असो उल्लेख कित्याक करूंक ना?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
n.	अध्यक्षांनी ताका सांगलें, तार्ची 20 मिनटां जालीं तरी ताणें आपलें सादरीकरण करुंक ना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
o.	गों.रा.प्र.नि. मंडळान आयज खबरापत्रांत जारी केल्ले सुचोवणे भितर 5 मिनटांचे मर्यादेचो उल्लेख ना. देखून वेळेचेर मर्यादा कलेक्टरान घातल्या काय हेर कोणें, तें जाणा जावन घेवपाची इत्सा परगटायली.	-
p.	वेळेची मर्यादा काल सांगूंक जाय आशिल्ली, आयज 10:30 वरांचेर न्हय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
q.	खंयचे कायदो आनी सुव्यवस्थे खाला 5 मिनटांची वेळमर्यादा लागू केल्या ताची जाप दिले बगर आपूण सादरीकरण करूंक शकना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
r.	पुलीस आनी कलेक्टरान आपल्याक बळजबरेन हालयलो अशें कस्तोंदियो डि'सौज हांणें सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	86. मॅक्सी कुरैय, वाडें	
a.	आपूण निशेध करून उलयतां.	जाप दिवंक ना.
b.	भौशीक सुनावणेक पुलीस कित्याक दवरल्यात?	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
c.	पुलीस भौसाक धमकायतात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
d.	आपूण कॅन्सर पेशंट आसां. आपूण भौसा सयत पोडियमाचेर वळवळटां जाल्यार अधिकारी मात सुशेगाद बसल्यात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.

e.	एम.पी.टी. चो कोणूय प्रतिनिधी माचयेर आसा काय म्हूण ताणें निशेधान विचारलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
f.	अध्यक्षांनी तीनूय प्रकल्प एकामेका परस वेंगळे अशी जाप दिली..	-
g.	जे.एस. डब्ल्यू. च्या अधिकाऱ्यांनी आपली वळख करुन दिली.	श्री. आर. आर. पात्रा – उपाध्यक्ष. एन्थनी फर्नांडीस – युनिट मुखेली.
h.	कोळसो प्रदुशणाक लागून दुयेंत पडपी पेशंटांक मदत करुंक जे.एस.डब्ल्यू. न कसलीं पावलां उबारल्यांत? असो प्रस्न केलो.	लोकांच्यो हरकती नोंद करुन घेतले आनी तांकां मागीर जाप दितले अशें जे.एस.डब्ल्यू. च्या प्रतिनिधीन सांगलें.
i.	लोकांच्यो सगळ्यो हरकती नोंद करुन निर्णया खातीर ई. ए. सी. क धाडटले अशें अध्यक्षांनी सांगलें .	-
j.	हे भौशीक सुनावणेक लागून कायदो आनी सुवेवस्थेचो प्रस्न उप्रासल्यार अध्यक्ष जापसाल आसतलो काय म्हूण प्रस्न अध्यक्षाक केलो.	जाप दिवंक ना.
k.	हया प्रकल्पाक आजून मान्यताय मेळिल्ली ना आनी तो फकत मुळावे स्थितींत आसा आनी लोकांच्यो हरकती लक्षांत घेतल्या उपरांतच ई. ए. सी. ताचेर विचार करतली, अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
l.	जे.एस.डब्ल्यू. तांच्यो कोळश्यांच्यो राशी धांपता वा ना असो प्रस्न विचारलो.	कोळश्यांच्यो राशी ताडपत्रेन आनी कन्वेयर पट्टे लेगीत शक्य थंय धांपतात, तशेंच एक धांपिल्ली शेड बांदपाचो प्रस्ताव आसा, अशी जाप जे.एस.डब्ल्यू. च्या प्रतिनिधीन दिली.
m.	आपली वेवस्थापनाची सराव-चांचणी जे.एस.डब्ल्यू. न निमाणी केन्ना केल्ली? असो प्रस्न विचारलो.	प्रस्नाक लिखीत जाप दितले अशें प्रतिनिधीन सांगलें. एस.डब्लू.पी.एल. सुरक्षा कार्यशाळा धरून सर्वसामान्य पद्धती आनी नेम हांचें प्रमाण सुरक्षा चांचण्यो घडोवन हाडटा.
n.	इंधनाचो आनी अमोनिया टांकयांचो स्फोट जाल्यार जे.एस.डब्ल्यू. कडेन आपली वेवस्थापनाची कसलीच येवजण ना.	आपत्ती वेवस्थापन येवजण, हातूंत सैमीक आनी मनीस-निर्मीत संकश्टांचो विचार केला तशेंच तांचे खातीरची सज्जताय आनी प्रतिक्रिया येवजण तयार केल्या. 40 एसएस क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
o.	हया मुद्दयाचेर जे.एस.डब्ल्यू. कडल्यान जापेची मागणी केली.	86. एच क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
p.	अध्यक्ष भौशीक सुनावणेच्या सुरळीत कामकाजांत बादा हाडटा.	जाप दिवंक ना.
q.	भौसाच्या प्रस्नांक जे.एस.डब्ल्यू. जापो दिनाशिल्ल्याची नोंद जाली.	86. एच क दिल्ली आमची जाप पळोवची.

r.	जर जे.एस.डब्ल्यू.7 दशलक्ष लीटर उदक वापरतली जाल्यार थळाव्यांक उदका पुरवण कशी जातली? प. प्र. त. अहवालांत हया उदकाचो सोत सांगिल्लो ना.	प.प्र.त.च्या पाठ 5च्या अनुभाग 5.3.2.च्या पान 5-15 भितर सांगिल्ले प्रमाण हया प्रकल्पाक सुमार 500 कि.ली./दी उदक लागतलें. पोर्ट टर्मिनलाचेर सद्याक 200-250 कि.ली./दी. एम.पी.टी.च्या सां.प्र. 3.तल्यान प्रक्रियाकृत सांडपाणी वापरता. उदकाची अतिरिक्त गरज भौ.बां.खा.न चलयल्ल्या 2300 कि.ली./दी. सी.ई.टी.पी. उद्देगांतल्यान भागयतले.
s.	आपल्या उद्देगांत जे.एस.डब्ल्यू. थळाव्या गोंयकारांक रोजगार दिना.	46. झ आनी 46. ञ क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
t.	आपलें पुराय सादरीकरण नोंद करुन घेवपाची विनवणी तांणी केली. जिल्ल्याधिकारी हया नात्यान ताणेंय लोकांच्या प्रस्नांक जापो दिवपाक जाय.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
u.	आपूण निशेधा खाला सादरीकरण करतां-वेळेचेर घातिल्ले मर्यादेक लागून - हाचो ताणें पुनरुच्चार केलो. कालचे सुनावणेंत लोकांक जायतो वेळ दिल्लो, अशें ताणें सांगलें.	जाप दिवंक ना.
	87. सॅड्रिक डि'सौज, राय	
a.	अध्यक्षांन फकत 5 मिनटां उलोवपाक दिल्ल्याचो निशेध करुन आपूण उलयतां.	जाप दिवंक ना.
b.	भौसाच्या प्रस्नांक जे.एस.डब्ल्यू.चे प्रतिनिधी जापो दिनात.	86. एच क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
c.	कांय बाधीत पंचायतींक प. प्र. त. अहवालाच्यो प्रती दिवंक ना.	7. बी. आनी 7. सी. क दिल्ल्यो आमच्यो जापो पळोवच्यो.
d.	जीं गांवां 10 कि.मी. भितर पडटात तांकां अहवाल दिवप गरजेचें आनी तांकां अहवाल भेटयला, अशें अध्यसांनी सांगलें. हया विशयाचेर ई.ए.सी. निर्णय घेतली आनी गांवकऱ्यांक सुनावणे खातीर आफोवप काय बाधीत गांवा खातीर सुनावणी घेवप तें थारायतली, अशें अध्यक्षांनी सांगलें. आपलें कर्तव्य लोकांचीं मतां नोंदोवन तीं निर्णया खातीर ई. ए. सी. कडेन धाडपाचें आसा अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-
e.	डॉ. मोहन गिरप हया गों.रा.प्र.नि.मं. च्या अधिकाऱ्यांनी आपली वळख करुन दिली.	-
f.	26/04/2017 दिसा ध्वनी प्रदुशण संबंदान गों.रा.प्र.नि.मं. कडेन प्रकल्प प्रस्तावकाच्या उद्देगांत तपासणी करपा दिशींचे विनवणेचो संदर्भ तांणी दिलो. ही तपासणी मंडळान केल्या आनी तिचो अहवाल तयार आसा आनी ताचे	आमकां हे तपासणेच्या तारखे विशीं तशेंच वेळ आनी थळा विशीं खबर ना. देखून आमी जाप दिवपाचें टाळटात.

	वेल्यान ध्वनी-स्तर 75 डी बी नोंद जाल्या अशी जाप, गों.रा.प्र.नि. मंडळान दिली.	
g.	हया प्रस्नाचेर मंडळान कितें कारवाय केल्या? असो प्रस्न तांणी विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
h.	नोंदी तपासून अहवालाचेर प्रक्रिया केल्या उपरांत कारवाय सुरु करतलें, अशेंगों.रा.प्र.नि. मंडळाच्या प्रतिनिधीन सांगलें.	-
i.	कार्यान्वयन मंजुरी फाटीं घेतले, काळ-मर्यादा कितें आसतली असो प्रस्न तांणी विचारलो.	जाप दिवंक ना.
j.	प्रक्रियेक वेवस्थीत पाळो दितकीच कारवाय करतले अशें गों.रा.प्र.नि. मं. च्या प्रतिनिधीन सांगलें.	-
k.	जसो लोकांक उलोवपाक थरावीक वेळ दिला, तेच तरेन मंडळान लेगीत वेळापत्रक करुन वावर करूंक जाय, अशें तांणी सांगलें.	जाप दिवंक ना.
l.	आपूण एका दिसा भितर हे कागाळेची जाप दितां अशें गों.रा.प्र.नि. मं. च्या अधिकाऱ्यान सांगलें.	-
m.	एम.पी.टी. न हॉस्पिटल बांदलां वा ना? असो प्रस्न प्रकल्प प्रस्तावकाक केलो. हें हॉस्पिटल खंय आसा? असो प्रस्न गों.रा.प्र.नि. मं.डळाक केलो. हॉस्पिटला मुखार कोयराच्यो राशी पडल्यात, अशें तांणी सांगलें.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
n.	विकसनशील राष्ट्रां लेगीत तांची बंदरां आनी धक्के गर्देच्या वाठारा सावन पयस उबारतात.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
o.	आपत्ती वेवस्थापन येवजणे विशीं ताणें विचारले.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
p.	जिल्ल्याधिकाऱ्यांनी आपली वेवस्थापन येवजण आसा, अशी जाप दिली.	-
q.	व्हडल्या बोटींतल्यान आनी जेटीं वेल्यान व्हांवन वचपी कोळश्यांतल्या उदकाचो विचार केला? असो प्रस्न केलो.	17 एफ. क दिल्ली जाप पळोवची.
r.	आपूण 5 ए आनी 6 ए चो विस्तार आनी हेर दोन प्रकल्पांक विरोध करतां आनी गों.रा.प्र.नि.मं. चे बेपर्वा कारवायेचो निशेध करतां.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
s.	एप्रील, 2016 म्हयन्यांत एक टग बोट आनी पोन्टून मुंगरिल्ली तेन्ना आपली वेवस्थापनाची	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना. हे उपक्रम एम.पी.टी.चे कक्षेंत येतात.

	वेक्स्थीत उपकरणां नाशिल्ल्यान आपली वेक्स्थापन टिमीक प्रस्न सोडोवंक आठ दीस लागिल्ले. आतां मेरेन दुर्घटना घडूंक ना हें तांचें नशीब पूण दरेक फाकर नशिबाचेर पातयेवंक जायना. केपसायज बॉटींक लागून जाक्पी संकट अचकीत आनी व्हड आसू येता हाची बेसबरी देख म्हणल्यार कांदोळी हांगा मुंगरिल्ले रिव्हर प्रिंसेस जहाज, जें काडूंक 12 वर्सां लागलीं.	
	88. मादालिन पैरैरा	
a.	आपूण कॅन्सर पेशंट आसां आनी जेश्ठ नागरीक आसां, अशें तिणें सां गलें.	-
b.	फाटले तीन दीस आपूण सुनावणेंक बसून रावल्यां. प्रकल्प प्रस्तावकान वास्को शाराचेर हाडूंक सोदिल्ल्या अत्याचारांक विरोध करपा खातीर उलोवपाचें थारायलां.	विधान सारकें ना.
c.	आपूण वास्को शारांतच वाडल्या आनी वास्को दर्यावेळेचेरच पेंवपाक शिकल्या.	विधान सारकें ना.
d.	आदल्या तेंपार वास्को एक दर्यावेळ आसली आतां ती एम.पी.टी. न खणून नश्ट केल्या.	विधान सारकें ना.
e.	एम.पी.टी., अदानी आनी जिंदाल हांणी वास्को दर्यावेळ आनी परिस्थितिकी नश्ट केल्या.	विधान सारकें ना.
f.	वास्कोचें सौंदर्य नश्ट केलां.	विधान सारकें ना.
g.	सुनावणेक पुलीस दवरपाक हरकत आनी पुलीस धमकायतात अशें सांगलें.	जाप दिवंक ना.
h.	आपलें जिवीत, फुडार, भुरगीं, हांचे खातीर लडपाक वास्कोकार हे सुनावणेक आयल्यात, कायदो आनी सुवेवस्या निर्माण करपा खातीर न्हय.	जाप दिवंक ना.
i.	वास्कोंत कोळसो-क्रांती करुं नाका, अशी विनवणी प्रकल्प प्रस्तावकाक केली.	विधान सारकें ना.
j.	आतां मेरेन भौसान मांडिल्ल्या मतां वेल्यान एम.पी.टी. आनी कोळसो हाताळणी प्रकल्प गोंय नश्ट करतलें हें स्पश्टपणान दिसता आनी कंपनी कडेन वास्कोचें पर्यावरण राखपा खतीर कसलीच येवजण ना.	विधान सारकें ना.
k.	कोळसो प्रदुशणाक लागून भुरग्यांक 'ऑटीजम' जावं येता.	1. ए. आनी 4. सी. क दिल्ल्यो आमच्यो जापो पळोवच्यो.

l.	समळ्या उलोवप्यांनी अभ्यासपूर्ण सादरीकरणां केल्ले खातीर उपकार मानले. हया सादरीकरणांक लागून सर्वसामान्य लोकांक हो प्रकल्प बऱ्याचो न्हय, हें प्रकल्प प्रस्तावक, कलेक्टर आनी गों.रा.प्र.नि. मंडळाक कळळें, अशें तिणें म्हणलें.	विधान सारकें ना.
m.	आपूण जें मत मांडटां, तें तीनूय प्रकल्पां खातीर आसा आनी तीनूय भौशीक सुनावण्यांच्या इतिवृत्तांत तें नोंद करुन घेवचें.	एस.डब्लू.पी.एल. कडेन संबंदीत प्रस्नांक योग्य जापो मेळटल्यो.
n.	खूब भुरग्यांक पल्मनरी दुयेसां (खांकी कडेन संबंदीत) जाल्यांत.	1. ए. आनी 4. सी. क दिल्ल्यो आमच्यो जापो पळोवच्यो.
o.	वास्कोच्या नागरिकांचेर कित्याक अत्याचार करतात, असो प्रस्न प्रकल्प प्रस्तावकाक केलो. देशाच्या फायद्या खातीर वास्कोकारांक कोळश्याचो स्वास घेवचो पडटा.	जाप दिवंक ना.
p.	कोळसो प्रदुशणाक लागून जिवीत व्हशडायल्या जायत्या जाणाक ती वळखताली.	जाप दिवंक ना.
q.	भौशीक सुनावणी सुरु जावचे पयलीं, सुचोवणी दिल्ल्याच्या काळांत, दर्यावेळेचेर कोळसो धुंवून सोडून दिल्लो, जी प्रकल्प प्रस्तावकान केल्ल्या प्रदुशणाची गवाय आसा.	जाप दिवंक ना. अशे तरेच्यो घडणुको एस.डब्लू.पी.एल.न चलयल्ल्या टर्मिनलाचेर घडिल्ल्यो ना.
r.	प्रकल्प प्रस्तावकाच्या उद्देगांतल्यान कोळसो लोकांच्या घरांनी रिगता.	-
s.	गोंयची माती तांबडी, पूण वास्कोची माती काळी.	जाप दिवंक ना.
t.	प्रकल्प प्रस्तावकाक चड कोळसो आयात करपाची परवानगी दिली जाल्यार प्रदुशण उणें जावचें ना, वाडटलें.	आधुनिकीकरणा भितर फकत परिणामकारक एकात्मीक आनी कुशळ ए.पी.सी.एम. बसयतले. पर्यावरण संवेदनशील वाठारांचेर खंयचोच चडावत विपरीत परिणाम जावचो ना. एस.डब्लू.पी.एल. प.रा.ह.ब.मं. आनी गों.रा.प्र.नि.मं. हांणी निश्चीत केल्ल्या प्रदुशण मानक स्तरांक पाळो दितली.
u.	कोळश्याची आयात वाडिल्ल्यान कोळश्याच्या राशींची उंची वाडटली आनी ताका लागून त्यो धांपप. शक्य जावचें ना.	प्रस्तावीत आधुनिकीकरणांत राशींची उंची वाडोवचे नात. टर्मिनलाची क्षमताय कार्गोंचो टर्मिनलांतलो वेळ उणो करून आनी टर्मिनल खाली करपाची सरासरी वाडोवन वाडटली.
v.	वास्कोच्या लोकांच्या तोंडाक गुड्डो मारला आनी तांच्या उलोवपाचेर बंदी घातल्या.	जाप दिवंक ना.
w.	सोनशीचो खण-वेवसाय कित्याक बंद जालो? तशीच कारवाय वास्कोंत कित्याक करपाक जायना?	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.

x.	वास्कोंत परतून नितळ हवा खेळची अशीं मागणी केली.	जाप दिवंक ना.
y.	संविधानीक हक्क आशिल्ल्यान नितळ हवेची मागणी केली.	जाप दिवंक ना.
z.	पुर्तुगेजां तेंपार गोंय मुळावया स्वरुपांत आशिल्लें. आपणाक सर्गेस्त कवी मनोहरराय सरदेसायाची याद येता.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना.
aa.	वास्कोकारांचेर कोळसो हाताळपी टोळयांचो शेक चलता.	जाप दिवंक ना.
bb.	पुर्तुगेजांनी स्थापन केल्ल्या नुस्तें-उद्देगांत बरी नुस्तेमारी जाताली, पूण आयज न्हंयेंत प्रदुशण जाल्ल्या कारणान नुस्तेमारीचें प्रमाण देंवलां.	जाप दिवंक ना.
cc.	हेर राज्यांच्या फायद्या खातीर गोंयांत कोळसो आयात करतात.	जाप दिवंक ना.
dd.	श्री. कुस्तोद हांणी कोर्टांत वचून, दर्यांत खोदकाम करपाची एम.पी.टी. ची बेकायदेशीर कृती उक्ताडाक हाडून एम.पी.टी. चो प्रकल्प रद्द करुन घेतिल्ले खातीर तांणी तांकां स्रेय दिलें.	जाप दिवंक ना.
ee.	झुवारी न्हंयेचें खोदकाम करप म्हणल्यार तिचेर बलात्कार करप	जाप दिवंक ना.
ff.	पोडियमाच्या सामकें लागी पोलीस उबे राविल्ले खातीर विरोध केलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	89. फ्रांसिस गोन्साल्वीश	
a.	ताणें नाझीर खान, वास्को हाका उलोवपाची संद दिली.	-
b.	प्रकल्पप्रस्तावकांचें सादरीकरण करपी अनुवादकाक माचयेर आफयलो.	अनुवादकान डॉ. भावे अशी आपली वळख करुन दिली.
c.	प्रकल्प प्रस्तावकाचें सादरीकरण अनुवादकान कांय मिनटां भितर कशें केलें ? जेन्ना लोकांक सादरीकरण करुंक 2 वरां लागतात? असो प्रस्न तांणी केलो.	प्रकल्प प्रस्तावकाचे वतीन आनी कंपनीन जी माहिती दिल्या तिच्या आदारान आपूण सादरीकरण केलां, अशें अनुवादकान सांगलें.
d.	भौशीक सुनावणेक मुरगांव मतदार संघाचो एक लेगीत आमदार हाजीर ना. कोळसो प्रदुशण आनी प्रकल्प हे विशीं आमदारांची भुमिका जाणून घेवपाची इत्सा परगटायली.	जाप दिवंक ना.
e.	एका फास्ट-फुडाचे चिमणेंतल्यान कितलें प्रदुशण जाता? असो प्रस्न गों.रा.प्र.नि.मं.क विचारलो.	विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबद्ध ना. हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	मंडळाच्या प्रतिनिधीन तें प्रमाण थारावंक येना, अशी जाप दिली.	-

f.	एकें कागाळेचेर आदारुन मंडळ लायसेन्सा बगरच्या ल्हान उद्देगांचेर कारवाय करता. पूण एम.पी.टी., अदानी आनी जे.एस.डब्ल्यू. सारक्या कोळसो हाताळपी उद्देगांचेर मात कांयच कारवाय करिनासतना फकत अर्थशुन्य नोटिशी धाडटा.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
g.	कोळसो प्रदुशणाक लागून वास्कोंतलीं भुरगीं अस्थमा जावन दुर्येत पडटात, पूण गों.रा.प्र.नि.मं. कारवाय करिना.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
h.	16/02/2016 तारखेच्या पत्र क्र. 1/20/15 - प्र.नि.मं./ टॅक/ 1091 वरवी प्र. नि. मंडळान मे. एम.पी.टी., एस.डब्ल्यू.पी.एल. आनी अदानीक सकयल्ल्यो गजाली करपा खातीर नोटिशी धाडिल्ल्यो:	
i.j.	1. ट्रकांचे ओवर लोडिंग करप ना.	रस्त्याचेर वाहतूक जांवचीं ना.
	2. कोळश्यांची उंची 5 मी. परस उणी आसूंक जाय. पूण ही उंची 5 मी परस चड जावन लेगीत कारवाय करुंक ना.	कोळसो एक थरावीक उंची मेरेन दाळटात. त्या भायर 12 मी. वणत वारो आडोवपा खातीर उबारतले.
	3. कोळसो स्टॅकयार्डान उदकाची फवारणी करुंक जाय. मंडळाच्या आदेशांची पुर्तताय जाल्या वा ना हें जाणून घेवपाची इत्सा परगटायली.	कोळश्यांचे राशींचेर उदक फवारणी करतात.
	4. कोळश्यांच्या राशींचेर ताडपत्री धांपप. तीनूय कंपन्यांनी हाका पाळो दिल्लो ना, तरीय कांयच कारवाय केल्ली ना.	दाळणी आनी उसपणी सोडून हेर वेळार राशी धांपून दवरतात.
	5. ट्रकांचेर ताडपत्री घालप. कोळसो आनी वुडचिप्स व्हरपी ट्रक धांपिल्ले आसनात.	रस्त्याचेर वाहतूक जांवचीं ना.
	6. उदक फवारणेक प्रवाह मीटर बसयल्ले नात, असो आरोप तांणी केलो.	प्रवाही मिटर बसयल्यात आनी प्रवाह नियंत्रीत केला.
	7. ह.भों.गु.त. आनी सप्तकी तपासणी माहितो गों.रा.प्र.नि.मं.क सप्तकी धाडप.	गों.रा.प्र.नि.मं.क म्हयन्याळी अहवाल दितात.
k.	हें सगळें केलां वा ना असो प्रस्न जें.एस.डब्ल्यू. आधिकाऱ्यांक केलो.	श्री. एन्थनी फर्नांडीस (एस.डब्ल्यू.पी.एल. चे मुखेली) हांणी मंजुरेंतल्या अटीं प्रमाण ते गों.रा.प्र.नि. मंडळाक म्हयनाळी अहवाल धाडटात अशी जाप दिली.
l.	जे.एस.डब्ल्यू म्हयनाळी अहवाल धाडटा, सप्तकी न्हय, अशे तांणी सांगलें.	संमती करारांतले अटी प्रमाण हे करतात.
m.	पत्रा प्रमाण मंडळाक सप्तकी अहवाल येवपाक जाय, पूण कंपनी तसो धाडिना. कोळसो प्रदुशणा संबंदात मंडळा कडेन वास्कोच्या लोकां कडल्यान आयजचे तारखे मेरेन कितल्यो कागाळी पावल्यात? असो प्रस्न मंडळाक केलो.	गरज पडल्यार सप्तकी दिवं येता. प्रकल्पा कडेन संबद्ध ना.

	गों.रा. प्र.नि.मं.च्या अधिकाऱ्यान ते संबंदीच्यो नोंदी तपासून ते प्रमाण कळीत करतले, अशी जाप दिली.	-
n.	ह्या विशयांत ताणें प्रधानमंत्र्याच्या कार्यालयाक पत्र बरयलां. प्रधानमंत्र्याच्या कार्यालयान मुखेल सचिवाक कारवाय करपाक सांगल्या. जर प्रधानमंत्र्याच्या कार्यालयाक ताच्या पत्राक जाप दिवपाक जाता, जाल्यार राज्य सरकार कित्याक जाप दिनात? असो प्रस्न विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
o.	आयजचे भौशीक सुनावणेक येतना एम.पी.टी./जे.एस.डब्ल्यू. चे अधिकारी तयारी करुन आयले नात, देखून ताचेर कारवाय करपाची मागणी.	जाप दिवंक ना.
p.	जे.एस.डब्ल्यू. च्या प्रकल्पाक मान्यताय दिवपाक विरोध.	जाप दिवंक ना.
q.	उद्देग कडल्यान लाब जाल्ल्या कारणान आमदार ह्या प्रकल्पाक विरोध करिना, अशें ताणें सांगलें.	जाप दिवंक ना.
	90. श्री. वसंत नायक	
	अध्यक्षांनी श्री. वसंत नायक हांकां उलोवपाक आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	91. श्री. महम्नद युसूफ खान	
	अध्यक्षांनी श्री. महम्मद युसूफ खान हांकां आफयले	
	92. श्री परशुराम शेट्ये	
a.	कायदेशीर मुद्दो उपस्थीत केलो आनी कलेक्टराक सुनावणेक उलोवपा खातीर पब्लीक रजिस्टर उजवाडावपाची मागणी केली.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
		कलेक्टरान जेवणाची सुटी घोशीत करून द. 2:45 क सगळ्यांक परतून आफयले.
	93. श्री. वसंत नायक	
	अध्यक्षांनी श्री. वसंत नायक हांकां उलोवपा खातीर आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	94. श्री. अब्दूल रहमान शेख	
	अध्यक्षांनी श्री. अब्दूल रहमान शेख हांकां उलोवपा खातीर आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	95. श्री. महम्मद युसूफ खान	
	श्री. महम्मद युसूफ खान हांकां उलोवपा खातीर आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	96. श्री. हॅन्री डिमेलो	

	अध्यक्षांनी श्री. हॅन्री डिमेलो हांकां उलोवपा खातीर आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	97. श्री. निकलांव सातिबेर	
	अध्यक्षांनी श्री. निकलांव सातिबेर हांकां उलोवपा खातीर आफयले	ते हाजीर नाशिल्ले.
	98. श्री. आरावजो (निकलांव सातिबेर हांच्या वांट्याक उलयले.)	
a.	आपूण फाटले तीन दीस सुनावणेक हाजीर आसां. आयज स्थगीत जाल्ली सुनावणी आसा. कोळसो वृद्धी संदर्भांत आपलीं मतां अशीं आसातः	
	• धक्क्याची स्थिती साप्प वायट आसा आनी ताचे वयल्या कामगारांक लेगीत संरक्षक उपकरणां मेळनात. प्रकल्प प्रस्तावकान कर्मचाऱ्यांक वैयक्तीक संरक्षक उपकरणां दिवंक जाय.	एस.डब्लू.पी.एल. कर्मचाऱ्यांक हेलमेटा, मास्क आनी हेर सुरक्षा उपकरणां दिता. कोळश्यांच्या राशींचेर सदांच ताडपत्री धांपतात आनी हवेंत धुल्ल हुबचो न्हय म्हूण एक वारो आडोवपी पड्डो उबारला. त्या भायर बर्थ निवळावणे खातीर यांत्रिकी सान्न आशिल्लीं वाहना भोंवडयतात.
	• प्रकल्प प्रस्तावकान निर्धारीत उंचाये परस उंच कोळश्यांच्यो राशी मांडल्यात आनी त्यो उक्त्योय दवरल्यात.	विधान सारकें ना. कोळसो एक थरावीक उंची मेरेन दाळटात. त्या भायर 12 मी. वणत वारो आडोवपा खातीर उबारतले. दाळणी आनी उसपणी सोडून हेर वेळार राशी धांपून दवरतात.
	• फवारणेचें उदक थेट न्हंयेंत वचून उदक आनी नुस्त्याचें संदुशण करता.	कोळश्यांचे राशींचेर उदक रोधी पत्रे दवरतात आनी सायडिनी धडो उबारतात. देखून कोळश्यांच्या राशींतल्यान उदक व्हावपाची शक्यताय ना. जर किदेंय व्हांवटी जालीच जाल्यार ती सांठवण टांकयेंत एकठाय करतात, थेट दर्यांत वचूंक दिनात. जमिनी वयले सामुग्री हाताळणी कडेन नुस्तेमारीचो संबंद ना.
	• फवारणेक वापरिल्ले उदक कच्चे सांडपाणी आसता, ताका घाण येता जिचो त्रास आशीकुशीच्या लोकांक जाता.	सद्याक एम.पी.टी.च्या सां.प्र.उ.तल्यान 200-250 कि.ली./दी. प्रक्रियाकृत उदक वापरतात.
	• प.प्र.त. सादरीकरण पुराय रितीन फट आसा.	36 ए.क दिल्ली आमची जाप पळोवची.
	• वुडचीप हाताळणे वेळार जी गळटी जाता ती थेट दर्यांत वता.	टर्मिनल 5 आनी 5 (ए)चेर वुडचीप हाताळणी जांवचीना.
	• प्रकल्प प्रस्तावक मानवी हक्कांचें उल्लंघन करून वावुरता.	जाप दिवंक ना.
	• हवा फकत 10 कि.मी. त्रिज्या वाठारांतच व्हांवता काय 10 कि.मी. भायर ताजी हवा तयार जाता? असो प्रस्न विचारलो.	विधान सारकें ना.
	• हेर शारांतल्यान वचपी ट्रक आनी रेल्वेंक लागून प्रदुशण जायना? असो प्रस्न विचारलो.	सद्याक ट्रकांतल्यान कारगोची येरादारी ना आनी आधुनिकीकरणां उपरांत लेगीत ती आसची ना. टर्मिनालचे सुरवेक सावन रेल्वेंतल्यान कार्गोची

		येरादारी जाता. रेल्वेचे रेक धांवता आसतना धांपिल्ले आसता.
	• जे.एस.डब्ल्यू., एम.पी.टी., अदानी आनी गों.रा.प्र.नि.मं.चेर केस दाखल करूंक जाय.	जाप दिवंक ना.
	• कोळसो हाताळणेच्या अहवाला संबंदांत आपणें तीन फावट गों.रा.प्र.नि. मंडळा कडेन संपर्क केलो, तेन्ना ताका मंडळाच्या वांगडी सचिवाक मेळपाक सांगलें. कांय अधिकाऱ्यांनी ताका कोळसो हाताळणी प्रकल्पांतले प्रदुशक स्तर भोवच चड आशिल्ल्याचें सांगले. प्रदुशणाची नेमकी टक्केवारी कितें? असो प्रस्न तांणें गों.रा.प्र.नि. मंडळाक विचारलो.	हें विधान प्रकल्प प्रस्तावका कडेन संबंदीत ना.
	मंडळाच्या अधिकाऱ्यांनी श्री. आरावजो हांकां ती माहिती मंडळाचे वेबसायटीचेर उपलब्ध आशिल्ल्याचें सांगले.	-
	• प्रकल्प प्रस्तावकान कंपनीक ह्या प्रकल्पाक लागून कितें फायदो जावचो तें प.प्र.त. अहवालांत नमूद करूंक ना.	विधान सारकें ना. पाठ 1 अनुभाग 1.3, पान क्र. 1-5 मजगती प्रकल्पाचें प्र.प्र.क जावपी लाब सांगल्यात.
	• ही सुवात एक पुनर्वशीत जमीन आसा आनी ती भरून काडूंक एक म्हयनो लागतलो.	विधान सारकें ना. हो प्रकल्प सद्या चालू आशिल्ल्या प्रकल्पाचोच वांटो आसा. उदकांत वा जमिनीचेर अतिरिक्त बांदकाम जावचें ना. ह्या प्रकल्पांत पुनर्वसनाचो आसपाव ना.
	• लोकांचे भलायकेक कोण जापसाल आसतलो? गों.रा.प्र.नि.मं., अदानी, जे.एस.डब्ल्यू. काय एम.पी.टी.? कोळसो हाताळणेक लागून बाधीत लोकांच्या वखदांच्या बिलांची जापसालकी कोण घेतलो? अशे प्रस्न विचारले.	1 ए. आनी 4 सी.क दिल्ली जाप पळोवची.
	• वेंचून आयिल्ले प्रतिनिधी भौशीक सुनावणेक येवंक नाशिल्ल्या खातीर तांणें तांचो खर निशेध केलो. ते कोणाचें प्रतिनिधित्व करतात? जे.एस.डब्ल्यू., अदानी काय एम.पी.टी.चें? ह्या राक्षसांक फाटराखण दिवप ही तांका लजेची गजाल, अशें तांणी म्हणले.	जाप दिवंक ना.
	• प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्रस्तवाक मंजुरी दिवपाक ताणे खर विरोध केलो.	जाप दिवंक ना.
99. अभिजीत प्रभुदेसाय, वास्को:		

a.	सुनावणेच्या पयल्या दिसा, 26/04/2017 दिसा लोकांनी विचारिल्ल्या खंयच्याच प्रस्नाक प्रकल्प प्रस्ताक्कान जापो दिवंक ना, आनी सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो ते दिसा निमाणें दितले अशें सांगिल्ले. पूण आयज मेरेन तांणी प्रस्नांक जापो दिवंक नात.	प्र.प्र.न प्रस्नांच्यो लिखीत जापो दिवंक जाय. लिखीत जाप दिल्या.
b.	लोकांनी पयल्या दिसा उपस्थीत केल्ले सगळे प्रस्न जाणून घेवपाची इत्सा परगटायली.	नोंद केल्ले इतिवृत्त लोकांक कोंकणी आनी इंग्लिशींतल्यान वाचून दाखयलां, देखून तीन दिसांत भौशीक सुनावणेंत उपस्थीत केल्ल्या प्रस्ना विशीं आनी सुचोवण्यां विशीं सगळ्यांक महिती दिल्या.
c.	लोकांक इतिवृत्तांत दुरुस्ती करपा खातीर तांणी क्लेक्टरा कडल्यान वेळ मागून घेतलो.	जाप दिवंक ना.
d.	गरजेचे बदल करपा खातीर 06/05/2017 मेरेन वेळ दितले अशें अध्यक्षांनी सांगलें.	-

लोकांच्या प्रस्नां संबंदांत स्पश्टीकरण दिवपाचो आदेश प्रकल्प प्रस्तावकाक अध्यक्षांनी दिलो. प्रकल्प प्रस्तावकाच्या प्राधिकृत प्रतिनिधीन सकयल्ले प्रमाण सादरिकरण केलें.

1. इतिवृत्ताची पुराय रितीन नोंद घेतल्या.
2. प.प्र.त. अधिसुचोवणेंत दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण माहिती वा स्पश्टीकरण दिवंक एस.डब्ल्यू.पी.एल. बांधील आसा आनी तें ते लिखीत स्वरूपांत दितले.
3. सकयल्लीं 5 महत्वाचीं स्पश्टीकरणां लोकां मुखार दवरल्यांत.
    - भौशीक रस्त्यान/मार्गान कसलीच कोळसो योरादारी ते करचे नात आनी प्रस्तावीत वृद्धी प्रकल्पांत ती जावचीना.
    - अतिरिक्त निर्णायक कार्गोची हाताळणी करूंक सद्याची रेल्वे साधनसुविधा फावो तितली आसा, रेल्वे दुपेटीकरणाचो प्रस्ताव कंपनीन दवरूंक ना.
    - सद्याच्या उद्देगा खातीर एम.पी.टी.चें प्रक्रियाकृत सांडपाणी ते वापरतात. प्रस्तावीत वृद्धी खातीर उद्देगा लागीं बायणा हांगाचें 2300 कि.ली./दीस सी.ई.पी.टी. उदक वापरतले.
    - सद्याक वर्सूयभर ते ताडपत्रेन कार्गो धांपून दवरतात. एक ब्रावनफिल्ड प्रकल्प आशिल्ल्यान सं.सं. मार्गदर्शक सुचोवण्यां प्रमाण ताचो विचार करतले.
    - आमच्या प्रकल्पाचो वांटो म्हूण आमी दर्यांत कसलेंच खोदकाम (ड्रेजिंग) करचे ना. ड्रेजिंग आसूं वा नासूं आमचो प्रकल्प स्वतत्र आसा.

------- XXX -------

ii. Statement of representations received during the additional period of 7 days as provided by District Magistrate after the PH and its reply by SWPL, Goa

REPLY TO THE WRITTEN QUERIES

of

ENVIRONMENTAL PUBLIC HEARING

for

PROPOSED TERMINAL CAPACITY ENHANCEMENT AT BERTH 5A & 6A OF MORMUGAO PORT TRUST, MORMUGAO, GOA

by

M/s. SOUTH WEST PORT LIMITED, MORMUGAO HARBOUR, GOA

CONSULTANTS:
WAPCOS INDIA LTD., GURUGRAM
(A Government of India Undertaking)

PROPOSED TERMINAL CAPACITY ENHANCEMENT AT BERTH 5A & 6A OF MORMUGAO PORT TRUST
BY
M/s. SOUTH WEST PORT LIMITED, MORMUGAO HARBOUR, GOA

1. Chicalim Villagers Action Committee, Chicalim, Goa		
i.	It is strange that the project to expand the port has been split into three parts. The only possible reason for this is to show each project as a small project so that the environmental impact looks minimal. The impact of all aspects of the port expansion should be considered together for the grant of environmental clearances.	Although the project location is in the Mormugao Port, the terminals 5A, 6A are being operated by SWPL, Goa. As per procedure given in the EIA Notification, 2006 (amended) SWPL duly obtained Terms of Reference (ToR) from MoEFCC, New Delhi for carrying out the EIA. The EIA/EMP report is thus prepared in accordance with the ToR for EIA issued by the MoEFCC.
ii.	The impact of air pollution due to the ports activities today has not been assessed. This must be done before attempting to assess the environmental impact of ports expansion. Failure to do this tantamount to doing an unscientific study.	The observation is not correct. Baseline Ambient Quality has been described in detail in Chapter 3, Environmental Baseline Status. section 3.15, page no. 3-17. Impact on the air quality during construction and operations phases are given in Chapter 4, section 4.2.4, page no. 4.4 and Chapter 4, section 4.3.4, page no. 4-14 respectively.
iii.	Expansion of the port and additional coal and iron ore handling will cause a significant air pollution. The reports have filed to make quantitative assessment in the change in air quality this will cause.	The standards for air emissions (NAAQS, 2009) notified by the Govt. of India are being met by us. We will adhere to the emissions standards in the capacity enhancement phase by installation suitable APCMs. Proposed emission control measures are given in the Chapter 4, Impact Assessment & Mitigation Measures, section 4.3.4, page no. 4.14. No significant impact on air environment due to the proposed capacity enhancement is envisaged.
iv.	The handling of additional coal or iron ore handling will cause additional toxic heavy metals, some of which being carcinogenic, to become airborne. A risk analysis must be done to assess the health impacts of these air pollutants. No mention is made in the reports of the emission of heavy metals and consequently of their impacts on human health.	The standards for air emissions (NAAQS, 2009) notified by the Govt. of India are being met by us.

v.	The additional air pollution loads due to the port expansion, particularly of Ozone, will impact vegetation and crop yields significantly. No quantitative assessment of this has been done.	There is no primary or secondary source of tropospheric ozone from the project.
vi.	The additional air pollution loads due to the ports expansion, particularly of acidic gases SO2 and NO2, will impact monuments by corroding them. Old Goa is a world heritage site. Failure to assess the impact of additional acidic gases in the air on old goa and other structures is a fraud.	There are no point sources of fuel combustion based pollutants[1], such as SO_2 and NOx in the project. The standards for air emissions (NAAQS, 2009) notified by the Govt. of India are being met by us. There will not be any additional SO_2 and NOx contribution from the project.
vii.	The report mentions that dredging would cause additional turbidity in the port waters and impact its aquatic ecology. The handling of coal and iron ore would impact the aquatic ecology of the port waters due to fugitive emission.	No dredging has been proposed as part of our modernisation and consequential capacity enhancement project.
viii.	Draft EIA of the above cited project has failed to mention or discuss a very sensitive ecologically fragile site namely the Chicalim bay. This bio-diversity hotspot is within 5 kms of the project site but does not find mentioned to assess to the impact of the project on the biodiversity of the primary and secondary area of the project's study area. We therefore place on record and bring to your notice about this so that you can take a competent decision accordingly:	It is categorically mentioned in the EIA report and in other statutory submittals that the proposal is about modernisation of an existing operation completely on the Port backup/land side. No change on the berth/marine side is proposed.
a.	This Chicalim bay is sensitive habitat and breeding ground of a critically endangered species of a mollusk, locally known as "MENDIOS", commonly known as "WINDOWPANE OYSTERS" and scientifically known as Placuna Placenta (Linne). Recognizing of the precarious conservation status of this, the species, accentuated by its unsustainable commercial value, the MoEF, GOI, has included Placuna Placenta (Linne), under the Schedule IV of the amended wildlife protection act, 1972.	Pls. refer our response to 1(viii).
b.	This water body influenced by tidal waters of the Indian ocean and fed by the Zuari river also helps breed other various, sea lives besides supporting mangroves around its circumstantial vicinity. Clams (tisreos), Oysters (Kalwan), Crabs and Mussels are found abundantly here and exploited sustainably by large number of local villagers as a source of their livelihood. The sediments of this river beds are rich breeding grounds for a variety of shell fishes for generations and offer sustainable livelihood options to the marginalized.	Pls. refer our response to 1(viii).

[1] Except DG sets which are on standby duty and are operated occasionally.

c.	The Dept. of science, technology and environment, Govt of Goa, initiated a study of the said area through the NIO, a CSIR Lab.	No query raised, hence no reply is being offered.
d.	After conducting a detailed survey of the said water body, the NIO in its report of Feb 2010, gave a finding that the marine bio diversity of the Zuari Estuary with special reference to the Chiclaim bay was rich in marine bio diversity, harbouring more than 200 fauna and 34 phytoplankton species in addition to the mangroves and macrophytes, etc. The results of the study also indicate that the conditions in Chicalim bay are ideal for settlement growth and reproduction of *Placuna Placenta* (Window pane oysters). The NIO report further suggested that this area needs to be protected and managed judiciously.	Pls. refer our response to 1(viii).
e.	The local villagers at their own behest voluntarily initated a marine field survey of the Chicalim bay through Dr. Manoj R Borkar, eminent marine zoologist. The said survery report disclosed that the area along the coastal fringe of the chicalim village is an ideal habitat for the bi-valves. His study further pointed out the marine benthic zone between the Vareg Island and Fodiem and including the Sapal is also a rich habitat and breeding ground for the windowpane oysters a schedule IV species of the Bivalve Mollusc under the provisions of the wildlife protection act 1972.	Pls. refer our response to 1(viii).
f.	The Goa state bio diversity board has erected boards at four locations all along the land side of the Sancoale bay announcing the area ecologically fragile marine site.	No query raised, hence no reply is being offered.
g.	The Goa coastal zone management authority (GCZMA), had appointed an expert committee at the direction of the national green tribunal, Pune in the appeal no. 10/2016, to study the "deepening of approach channel for cape size vessels at MPT". The said expert committee submitted its report "Environmental status and impacts due to dredging operations", of the said deepening project of MPT". This said report raised serious apprehensions on various issues resulting out the said dredging including on risks of erosion of certain areas including Vasco bay. It demanded a separate geo technical study to address the issue of beach erosion and/or link between dredging and beach erosion. In view of the submissions made above, The Chicalim village action committee further demands that a reassessment of the impact be conducted with senior multi-disciplinary body competent enough to understand these subjects. Until such time that a detailed scientific study is prepared, the proposed project must be deferred applying the precautionary principle as envisaged by the Supreme court of India.	No dredging has been proposed as part of our modernisation and consequential capacity enhancement project.

2. Vinayak Vishwanath Sathe, Dabolim		
i.	The consensus of those in the coal industry is that, even with stricter regulations, coal will remain an essential player in the energy market, it is just a matter of figuring out how to function in the new legislative landscape and still make business work.	No query raised, hence no reply is being offered.
ii.	EPAS in Europe are particularly concerned about runoff and windblown dust from open piles, that is why they have been putting coal under cover.	No query raised, hence no reply is being offered.
m.	GCZMA न तज्ञ समिती नियुक्त केल्या, जांच्या अहवालात ड्रेजींगाक लागुन जावपी वेगवेगळ्या मुद्दयाचेंर गंभीर हुस्को उक्तायला, हांतुत वास्को खाडी सयत थारावीक वाठाराची झीज जावपाचो धोको उक्तायला. किनारी झीज आनी /वा ड्रेजींग आनी किनारी झीजे मदली जोडणी ह्या मुद्दयाचेर वेगळो भू तंत्रीक अभ्यास करपाची मागणी तांतुत केल्या.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
n.	ईआयए अहवालात निरीक्षण क्षेत्रातल्या लोकसंख्येचो चुकीचो आकडो दिला. समा आकडो वेगळो दिला.	निरीक्षण बरोबर ना. प्रकल्प क्षेत्रातले लोकसंख्येचे चित्र जनगणना अहवाल 2011 चेर आधारुन आसा. ह्या प्रकरणात सादर केल्ली म्हायती ही मुखेलपणान मुळावो जनगणना गोशावरो. 2011 हातुतल्यान घेतल्या.
o.	आपत्ती वेवस्थापन आराखड्यात बंदराच्या सरभोवतणच्या लोकसंख्येच्या स्थलांतरणा वीशी कांयच नमुद करुंक ना. बंदराक तेंकुन पेट्रोल आनी एसीडाच्यो टाकयो आसात.	क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण MSIHC नेम, 1989 (दुरुस्ती, 2000) प्रमाण धोकादायक म्हाल हाताळपाचो प्रस्ताव ना. सुवाते भायल्यो घडणुको (SWPL वाठाराच्या शीम मर्यादेच्या भायर परिणाम जावपी) सद्याच्या आनी प्रस्तावीत वावरात जावपाची शक्यताय ना.
p.	वायु प्रदुशण विश्लेशण प्रत्यक्ष सोदात उणे पडता. देखरेखीचो काळ MoEF च्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण नियोजीत करुंक ना. वयर दिल्ल्या निवेदनाच्या उजवाडात, PAAI, असो तर्क करता की, भोवशीक वाठारात परिचलीत केल्लो ईआयए प्रकल्प प्रस्तावकांक योग्य जावचे खातीर आनी प्रकल्पाक पर्यावरणीय मान्यताय मेळोवच्या	प्रस्न नेमको ना.

	खातीर तयार केला.	
6. श्री. रुई एम डा कोस्ता आरावजो, चिखली जैवविवीधताय वेवस्थापन समिती, चिखली		
i.	SWPL वरवी "एमपीटीच्या धक्को क्र. 5a आनी 6a च्या प्रस्तावीत टर्मीनल क्षमताय वाडीवेलो ईआयए मसुदो अहवाल न्हयकारुंक जाय कारण MoEFCC न बंदर आनी हार्बराच्या नेमांवीशी घालुन दिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वा कडल्यान तो विचलीत जाला.	प्रस्न नेमको ना.
ii.	सद्याच्या बंदराचे विस्तारीकरण आनी किनारी क्षेत्रात नवे प्रकल्प सुरु करपा संबंधान, पर्यावरण आनी रानां मंत्रालयाच्या (IA-III विभाग) ऑफीस मेमोरेन्डमात घालुन दिल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांक हांतुत पाळो दिवंक ना.	प्रस्न नेमको ना.
iii.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या कॉलम 9 (III) त नमुद केल्ल्या प्रमाण पर्यावरणीय नदरेन संवेदनशील वाठारावेली म्हायती हांतुत दिवुंक ना.	पर्यावरणीय नदरेन संवेदनशील प्रजातीं ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.17.9, पान क्र. 3-61 उपरांत योग्य रीतीन नमुद केल्यात. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले.
iv.	प्रस्तावीत सुवातीच्या विहीत 15 किमी परिघा भीतरले पर्यावरण आनी खुपशी महत्वाची पर्यावरणीय यंत्रणा आनी जैवविवीधताये कडेन एक तर दुर्लक्ष केला वा साफ केला वा उणे प्रतिनीधित्व केला.	प्रस्न नेमको ना.
v.	हवा आनी आवाज /कंपनांची देखरेख करपा खातीरच्यो नमुनो सुवातो प्रस्तावीत ऑपरेशन्स/वावरच्या संभाव्य परिणामाच्या वाठाराकडेन सुसंगत ना.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्ज्यात केलां.
vi.	मध्यवर्ती क्षेत्रातल्या जमनीवेल्या जैवविवीधतायेचेर पुरायपणान दुर्लक्ष केला आनी फक्त समुद्री पर्यावरणातल्या समुद्री (उदकाचेर उफेंवपी वस्तु) आनी बेन्थीक (समुद्री तळ) जीवांचेर लक्ष केंद्रीत केलां. ईआयए अहवालात न्हंयेच्या देगेवेल्या प्रजातींचो उल्लेख करुंक ना.	गोंय सरकाराच्या रानां अहवालाचेर आधारीत भूप्रदेशीय जैवविवीधताय, प्रकरण 3, विभाग 3.18, पान क्र. 3-63 चेर दिला. सागरी पर्यावरण, बेन्थीक आनी समुद्री पर्यावरण तपशीलान प्रकरण 3, विभाग 3.17, पान क्र. 3-28 चेर दिला.
vii.	ड्रेजींग "बेन्थो- समुद्री युग्मनात" हस्तक्षेप करुंक शकता, हाका लागुन हया उदकांतल्या जिवाणुंच्या मुळाव्या उत्पादन क्षमतायेक मार बसपाक शकता.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
viii.	चिखली खाडी ही उक्ती सुवात, सागरी जीवाणुं खातीर असामान्य वसाहत आसा. रानांजीव राखण कायदो 1972 प्रमाण अनुसूचीत प्रजाती वींडोपॅन ऑयस्टरांचे हांगा प्रजनन जाता. खाडीच्या NIO न केल्ल्या अभ्यासात CVAC चो मुद्दो उखलुन धरला की हो वाठार हया आदीच प्रदुशकांच्या ताणा खाला आसा आनी खाडीच्या सरभोवतणी उद्देगीक वावराक मान्यताय दिवची न्हय.	ईआयए अहवाल आनी ताच्या वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.

ix.	गोंय जैवविवीधताय मंडळान हो वाठार "पर्यावरणीय नदरेन नाजूक सागरी सुवात" म्हण जाहीर केला, जे ईआयए अहवालात नमुद करुंक ना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिंवक ना.
x.	चिखली किनारी वाठारात चीपांची झाडां आसात आनी म्हणुन CRZ परिणामांच्या उजवाडांत तांचे परिक्षण जावचे पडतले.	ईआयए अहवाल आनी ताच्या वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
xi.	बायणा किनारी वाठाराच्या विरुद्ध आशिल्ले 2 जुवें (ग्रेन्ड आनी पिकेनो जुवे) वाघुळा खातीर फाटली कितलीशीच दशकां वेगळो आवास आनी वसाहत आसा. तांचे संवर्धन हुस्को उणो करपाचो कसलोय यत्न EIA 2006, WPA 1972, BDR, 2002 हांचे खर उल्लंघन केल्ले वरीच जातले.	ईआयए अहवाल आनी ताच्या वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
xii.	अरबी समुद्राच्या बायणा किना-या लागसारच्या उथळ वाठारात डॉल्फीन सारख्या सस्तन प्राण्यांची हाजेरी आशिल्ल्याचे अहवाल आसात.	संवेदनशील आनी धोक्यात आशिल्ले किनारी जीवीत जशे की प्रवाळीं, डगोंगस, समुद्री तण, विशीश्ट चीपांची झाडां, आदी हांचेर ईआयए अहवाल, प्रकरण 3: पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.9, पान क्र. 3-61 उपरांत योग्य तरेन भासाभास केल्या.
xiii.	2015 वर्साच्या हालीच्या अहवालात, ग्रेन्ड आनी पिकेनो जुव्या लागसारची प्रवाळीं ईआयए अहवालात ना.	ग्रेन्ड जुव्याचेर हालीच प्रवाळीं सापडल्यात हे सत ईआयए अहवालात, प्रकरण 3: पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.17.10, पान क्र. 3-61 योग्य रितीन नमुद केला. ग्रेन्ड जुवो प्रस्तावीत प्रकल्पा कडल्यान समुद्री अंतरान 10 किमी पयस आसा आनी कसलोय उल्लेखनीय विपरीत परिणाम जावपाक प्रस्तावीत प्रकल्प सुवाते कडल्यान पयस आसा.
xiv.	मुरगाव बंदर विस्ताराच्या पर्यावरणीय परिणामांच्या अहवालांचेर टिप्पणी:	
	a. बंदराचो विस्तार करपाचो प्रकल्प तीन वेगवेगळ्या भागात विभागला हे अजाप कशे. अशे करपा फाटल्यान एकूच कारणाची शक्यताय आसूंक शकता आनी ते म्हळ्यार दर एक प्रकल्प ल्हान म्हणून दाखोवप जाका लागून पर्यावरणीय परिणाम उणो दिसतलो. पर्यावरणीय मान्यताय दितना बंदराच्या विस्ताराच्या सगल्या पैलूंचो परिणाम एकठाय मतीत घेवचो.	उपकार करुन 1(i) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	b. सद्या बंदराच्या वावराक लागून जावपी वायु प्रदुशणाच्या परिणामाचे मुल्यांकन करुंक ना. बंदराच्या विस्ताराच्या पर्यावरणीय परिणामाचे मुल्यांकन करच्या आदी हे करुंक जाय. हे करुंक अपेस येवप म्हळ्यार अविज्ञानीक अभ्यास केल्ले वरीच.	उपकार करुन 1(ii) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	c. बंदराचो विस्तार आनी अतिरीक्त कोळसो आनी लोह हाताळणीक लागून उल्लेखनीय प्रमाणात वायु प्रदुशण जातले. हाका लागून जावपी वायु दर्जाच्या बदलांचे गुणात्मक मुल्यांकन करपाक अहवालात अपेस आयला.	उपकार करुन 1(iii) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	d. अतिरीक्त कोसळो हाताळणी वा लोह खनीज हाताळणीक लागून अतिरीक्त वीखारी अवजड धातूंचो हवेतल्यान प्रसार जावपाक शकता, जातुतले कांय कांक्र जनक आसात. ह्या वायु प्रदुशकांचे भलायकेचेर जावपी परिणामांचे धोको मुल्यांकन करपाक जाय. अवजड धातूंचे उत्सर्जन आनी ताका लागून मानवी भलायकेचेर जावपी परिणामांचो उल्लेख अहवालात केल्लो ना.	उपकार करुन 1(iv) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	e. बंदर विस्ताराक लागून जावपी अतिरीक्त वायु प्रदूशण भाराचो, खासा करुन ओझोनाचो वनस्पती आनी पीकांचेर उल्लेखनीय परिणाम जातलो. हाचे दर्ज्यात्मक मुल्यांकन करुंक ना.	उपकार करुन 1(v) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	f. बंदर विस्ताराक लागून जावपी अतिरीक्त वायु प्रदूशण भाराचो, खासा करुन आम्ल वायु SO2	उपकार करुन 1(vi) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

	आनी NO2, चो स्मारकांक कळंब लागून परिणाम जातलो. पोन्ने गोंय हे संसारीक दायज सुवात. हवेतल्या अतिरीक्त आम्ल वायुचो पोन्ने गोंय आनी हेर बांधकामांचेर परिणामांचे मुल्यांकन करपाक आयिल्ले अपेस हे फंटींगपण आसा.	
	g. ड्रेजींगाक लागून बंदरातल्या उदकांत अतिरीक्त गढुळताय वाडतली आनी ताच्या जलीय पर्यावरणाचेर परिणाम जातलो कारण हांतुतलो कांय म्हाल बंदराच्या उदकातल्या जलीय पर्यावरणाचेर परिणाम करतलो कारण कांय म्हाल क्षणीक उत्सर्जन म्हण बंदरातल्या उदकांत वतलो अशे अहवालात नमुद केला. उदकांत अशे तरेचे उत्सर्जन जाल्यार जावपी परिणामांचे योग्य मुल्यांकन करुंक ना. अहवाल सामकोच उण्या विज्ञानीक दर्ज्याचो आसा आनी तांतुत दाखयला त्या परस अदीक लिपयला. हो अहवाल न्हयकारुंक जाय आनी ताच्या लेखकांक काळे वळेरेत घालुन तांचेर दंड घालुंक जाय.	उपकार करुन 1(vii) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
7. कुस्तोदीओ डिसोझा, वास्को		
i.	SWPL चवी धक्को क्र. 5A आनी 6A च्या क्षमताय वाडी खातीरच्या ईआयए अहवालाचो मसुदो भोवशीक छाननी खातीर थळाव्या भाशेत उपलब्ध करुन दिंवक ना. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या वेगवेगळ्या विभागा प्रमाण ती गरज आसा.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
ii.	ईआयए अहवालाचो थळावो मसुदो मध्यवर्ती वाचनालय, चिखली पंचायत आनी PCB च्या संकेतस्थळार उपलब्ध ना. तो सांता क्रुज पंचायतीक सादर करुंक ना जी प्रकल्प क्षेत्राच्या 10 किमी परिघात आसा.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
iii.	हे सगले 3 प्रकल्प खरे म्हळ्यार एक आसात, वावराच्या अनुसूचीच्या 7(e) प्रमाण ईआयए अधिसूचोवणी 2006 त EC ची गरज आसा.	हे निरीक्षण ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती) प्रमाण ना.
1. कुस्तोदीओ डिसोझा, वास्को		
i.	20.03.2017 तारखेचे पत्र, विशय: कोळसो (MPT) विस्तार प्रकल्पा खातीर भोवशीक सुनावणी जी आदी 20.03.2017, 24.03.2017 आनी 27.03.2017 तारखेक निश्चित केल्ली - त्या खातीर फावो त्या आकाराची सुवात आनी सप्तकाच्या योग्य दिसा खातीर विनंती.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
2. **एरीक पींटो, आल्तो पर्वरी, गोंय**		
i.	सकयल्या आधारांचेर आक्षेप: a. ड्रेजींगाक लागुन आनो समुद्री तळातल्यान 2.44 दशलक्ष क्युबीक मिटर्स रॅव काडिल्ल्यान किनारी भूंयेची रुपां आनी समुदायाचेर विपरीत परिणाम जातलो. b. कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन श्वसनाची दुयेंसा आनी फुफुसाचें कांक्राचे दुयेंस जाता.	a. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. b. निरीक्षण बरोबर ना.

	c. ट्रक आनी रेल्वेन अंतर्गत भागात कोळश्याची येरादारी करपावीशी ईआयए अहवालात वर्णन ना. d. गोंय हे पर्यटन सुवात म्हण फामाद आसा. हाका लागुन क्रुज टर्मीनलाच्या लागसारच्या वाठारात कोळश्याच्या यार्डाक लागुन पर्यटनाच्या हेताक मार बसतलो. e. भारतात स्वताचे उण्या दर्ज्याचे कोळश्याचे उत्पादन जाता, मात आधुनीक तंत्रज्ञानाक लागुन ताच्यो अशुद्धी काडुन उडोवप आनी प्रदुशण उणे करप, आनी प्रधानमंत्री श्री. मोदी हांच्या "मेक इन इंडीया" घोशणेक पाळो दिवप, हाका लागुन कोळश्याची आयात बंद केल्यार आमची वेपाराची न्हयकारी तुळा उणी जातली आनी आमच्या देशी कोळसो उद्देगाक उर्बा मेळतली.	c. सद्याच्या वावराक म्हालाच्या रस्तो येरादारीचो आस्पाव ना आनी क्षमता वाड जाल्या उपरांतय ती प्रस्तावीत ना. d. MPT च्या धक्को वाटपा प्रमाण दोनीय क्रुज टर्मीनल आनी आमच्या वावराचे सह-अस्तीत्व आसा. e. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
3. **लॉरेड्डा श्रीधरन, आम आदमी पार्टी (आप)**		
i.	सकयल्या आधाराचेर आक्षेप: • आदर्श आचार संहितेच्या उल्लंघनाची कागाळ • पक्षाचे फुडारी सुमार दसका वयर धुल्लाच्या प्रदुशणा आड आदोंलन करुंक सदाच फुडे आसात. • MPT ऑफिसर्स क्लबात भोवशीक सुनावणी घेवपा वीशी थळाव्या खबरापत्रात छापुन हाडील्ले मात त्या खातीर भारतीय वेचणुक आयोगाची मान्यताय घेवुंक नाशिल्ली, जी सक्तीची आवश्यकताय आसा. • मतदारांक रोजगार आनी सामाजिक अर्थीक लावाचे उतर दिवन तांका हायस दाखोवपाचो यत्न करुन MPT न भाजपाच्या मजतीन तीन प्रकल्पांच्या बांधकामाची प्रभावीपणान घोशणा केली आनी उतर दिले, जांतुत भोवशीक नीधीच्या व्हडा प्रमाणातल्या गुंतवणुकीचो आस्पाव आसा आनी ते आजुन मेरेन लोकांक खबर नाशिल्ले. • ह्या प्रकल्पांत ताकतीक ना आनी वेचणुक प्रक्रिये उपरांत सुनावणी घेतल्यार सर्ग सकयल पडचो ना. • पर्यावरणीय भोवशीक सुनावणी वेचणुक प्रक्रिये वेळार थारावप हो उणे लोक वाटेकार जावचे ह्या खातीर मुद्दाम केल्लो यत्न आसा. • वेचणुक प्रक्रिया पुराय जांय मेरेन भोवशीक सुनावणी फुडे धुकलची.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
11. दक्षीण गोंयचे जिल्लोधिकारी आनी जिल्लो न्यायदंडाधिका-यांचे कार्यालय.		
	दक्षीण गोंयचे जिल्लो न्यायदंडाधिकारी श्री स्वप्नील नायक हांणी 16.03.2017 तारखेक GSPCB क पत्र बरोवन सुवातींत बदल ना करपावीशी कळयला.	NA
12. दक्षीण गोंयचे जिल्लोधिकारी आनी जिल्लो न्यायदंडाधिका-यांचे कार्यालय.		

	दक्षीण गोंयचे जिल्लो न्यायदंडाधिकारी श्री स्वप्नील नायक हांणी 16.03.2017 तारखेक GSPCB क पत्र बरोवन, कळयला की श्री विनायक व्ही. साठे हांणी भोवशीक सुनावणेचे मुद्दे आनी ती फुडे धुकलपावीशी पत्रात बरयला, जाल्यार श्री विनायक हांचे कडल्यान कांयच प्रतिसाद मेळुंक ना.	NA
13. श्री सावीयो जे. एफ. कोरीया, वास्को दा गामा		
i.	सकयल दिल्ल्या मुद्यांवीशी GSPCB धाडिल्ले 25.01.2017 तारखेचे पत्र: • पर्यावरणीय भोवशीक सुनावणी 12.03.2017 तारखे उपरांत परतुन थारावची आनी सुवात बदलची. • MPT ऑफिसर्स क्लब हॅडलँड सड्यार आसा, हाका लागुन कुडका, बांबोळी वाठारातल्यान येवपी लोकांक ते त्रासाचे जातले. • भोवशीक सुनावणी वास्को शारांत खंयसरय घेवची. • ती तालुका मुख्यालयात घेवची. • प्रकल्प पुरस्कर्त्यांच्या मालकीचे सुवातेर वातावरण बिघडपाक शकता आनी मुक्त आनी प्रामाणीक सुनावणी खातीर अनुकुल ना. • भोवशीक सुनावणी शेनवार वा आयतारा घेवपाची मागणी करता. • लोकांचो उणो सहभाग आसतलो हाची जतनाय घेवच्या खातीर भोवशीक सुनावणी मुद्दाम जावन गैरसोयेची तारीख आनी सुवातेर दवरल्या अशे परतुन सांगता. • GSPCB क गंभीर भोवशीक सल्लोमसलत करच्या बदला फक्त सुनावणी घेवपाची औपचारीकता पुराय करपाक रस आसा अशे दिसता. • तीनांतली दर एक भोवशीक सुनावणी एका म्हयन्याच्या फरकान दवरची जाका लागुन लोक हांतुत गंभीरपणान वांटेकार जावपाक शकतले.	NA
14. श्री. कुस्दोतीओ डी सोझा, ओल्ड क्रॉस नुस्तेमारी बोट धनी सहकारी सोसायटी ली., वास्को, गोंय.		
i.	03.03.2017 तारखेचे, GSPCB क धाडिल्ले सकयली म्हायती दिवपी पत्र: • व्हडले सुवातेर स्थलांतर करपाची मागणी, शक्यतो वास्कोतले टिळक मैदान. • कारण सुनावणेक हाजीर रावपाक मार बशिल्ल्या लोकांच्या अपेक्षीत आकड्या खातीर प्रस्तावीत सुवात पुरायपणान अपुरी आसा.	NA
15. आल्कान्द गुरजाव, बायणा रापोणकार आनी नुस्तेमारी बोट धनी सोसायटी गोंय.		
i.	03.03.2017 तारखेचे, GSPCB क धाडिल्ले सकयली म्हायती दिवपी पत्र: • व्हडले सुवातेर स्थलांतर करपाची मागणी, शक्यतो वास्कोतले टिळक मैदान.	NA

	• कारण सुनावणेक हाजीर रावपाक मार बशिल्ल्या लोकांच्या अपेक्षीत आकड्या खातीर प्रस्तावीत सुवात पुरायपणान अपुरी आसा.	
16. श्री. गाब्रीयेल डिक्रुज		
i.	बंदराचो विस्तार आनी ड्रेजींगाक लागुन सकयली म्हायती दिवपी GSPCB क बरयिल्ले पत्र: • पर्यावरणीय धोके. • हंप बॅक डॉल्फीन्स, ओर्कास, पांखा नासिल्लो ल्हान आकाराचे व्हेल नुस्ते आनी किलर व्हेल्स हांका लुकसाण करपी सामको थेट आनी उण्या काळाचो भंय. • ड्रेजींगाक लागुन उदका पोंद्रा आवाज जाता जाचो हंप बॅक डॉल्फीन्स, ओर्कास, पांखा नाशिल्ले ल्हान आकाराचे व्हेल नुस्ते आनी किलर व्हेल्स हांच्या अन्न सोद आनी सामाजिक जिणेचेर गंभीर परिणाम जाता.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
17. वास्को आनी मुरगावचे गरीब आनी वंचित निवासी 211 सयां सयत.		
i.	कोळश्याक लागुन जावपी भलायकेच्या समस्येक लागुन आमका जगप कठिण करता कारण आमी व्हडली वैजकी बीलां फारीक करपाक शकनात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	MPT च्या प्रकल्पांक वाट करुन दिवच्या खातीर आमची घरां मोडली. बायणा, देस्तेरो आना खारीवाडो हे ते वाठार आसात ज्या वाठारातल्यान MPT आमका काडपाक सोदता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	वेगवेगळे ईआयए अहवाल आशिल्ले तीन प्रकल्प खरे म्हळ्यार एकाच प्रकल्पाचो वाटो आसात, म्हणुन ते एकामेकां बगर कार्यरत जावपाक शकनात. ईआयए अभ्यास पुरायपणान फटींग आसा आनी ToR सामकेच चूकीचे आसात.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआय़ए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
20. भोवशीक सुनातणेचे कांय तिडकल्ले उपस्थीत, 29 सयां सयत.		
i.	PH वेळार हाजीर आशिल्ल्या लोकांक सुनावणेत वाटेकार जावपाची संद न्हयकारल्या.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	3 प्रकल्पां खातीर एकूच PH घेवपाचो विचार करचो अशे MoEF न GSPCB क सांगिल्ले, मात GSPCB न 7 दिसांत 3 वेगवेगळ्यो सुनावणी घेतल्यो.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	हाजेरी पत्रकांचे वितरण करुंक ना, हाका लागुन व्हडा प्रमाणातले उपस्थीत सयो करुंक शकले ना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
21. श्री. परशुराम सोनुर्लेकर, मुरगांव, 4 सयां सयत.		

i.	वास्को शार आनी लागसारचो वाठार कोळसो प्रदुशणान पिडीत आसा. वास्कोकारांक कोळसो समस्या ही जीवन मरणाची समस्या जाल्या आनी ताचो भलायकी आनी जीवीताच्या दर्ज्याक गंभीरपणान मार बसता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	बंदर वाठारात पडुन आशिल्लो कोळसो धांपुन दवरपाक उपाय करुंक ना आनी अदिकारी म्हणतात की कोळसो धांपप हे प्रत्यक्षात अशक्य आसा.	निरीक्षण समा ना. साठो करतना वा सुधारणा करतना सोडुन हेर वेळार सदाच कोळसो साठो यार्ड ताडपत्रीन धापिल्लो आसता, क्षणीक उत्सर्जनाक आळो हाडपाक ताचेर सेगीत आनी पुरायपणान उदकाची फवारणी/फॉगींग जाता.
iii.	पर्यावरणीय प्रदुशणाचे परिणाम हे बरेच खबर आसात कारण GSPCB न Adani, SWPL आनी MPT क लेगीत कितल्योश्योच नोटीसी जारी केल्यात. मात कितल्योश्योच नोटीसी जारी करुन लेगीत प्रदुशण नियंत्रणात हाडपाक आनी बंद करपाक तांका अपेस आयला, आयच्या तारखे मेरेन कोळसो प्रदुशण दिसान दिस वाडत आसा आनी प्रस्तावीत वाड लाखांनी नागरीकांच्या जिवीताची नाशाडी करतले. कोळश्याचे प्रदुशण हे ल्हव जाता आनी ताचे मनश्याच्या जिवीताचेर जावपी परिणामांचे मुल्यांकन करुंक जाय कारण पयसुल्ल्या काळात ते परिणाम करतले.	GSPCB न निर्देश दिल्ल्या प्रमाण SWPL उपाय करता आनी प्रक्रिया आनी वेळेची मर्यादा दिल्या त्या प्रमाण प्रकरण वेळार आनी विज्ञानीक पद्धतीन सोडयता. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.
22. मुरगाव युवा ट्रस्ट, वास्को.		
i.	MPT त फुडल्या कोळसो वेपाराच्या विस्ताराचो खर निशेध आनी विरोध करतात, कारण कोळसो प्रदुशण ह्या आदीच निमाण्या पांवड्यार पावला आनी आमच्या पर्यावरणाचो -हास केला. ज्या तरेन अदानी आनी हेर कोळसो हाताळणी कंपनी MPT त कोळसो हाताळतात ते पुरायपणान कसल्याच प्रतिबंधात्मक उपाया बगर आसा.	प्रस्न विशिश्ट ना. कोळसो धुल्लाचे उत्सर्जन जावचे न्हय ह्या खातीर SWPL फावो तीतले आनी गरजेचे उपाय घेता.
ii.	तुतीकोरन बंदर जंय फक्त कोळसो हाताळतात, थंय व्हडा प्रमाणात प्रदुशण जाता म्हण ह्या धुल्लाच्या कोळश्याक न्हयकारला. ते ह्या MPT बंदरात हाडला, मात हाचो थळ्याव्यांच्या भलायकेचेर किते परिणाम जातले आनी हाका लागुन पर्यावरणाचो -हास जातलो हे मतीत घेवंक ना. आमचे अशे मत आसा की भलायकी आनी सुरक्षीत पर्यावरणा खातीर MPT तलो धुल्लाचो कोळसो वेपार पुरायपणान बंद करुंक जाय.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
23. मॅगी सिल्वेरा, भारत मुक्ती मोर्चा, दिवाडी, गोंय. **24. सेबेस्तीयन रॉड्रीग्स, झुवारीनगर, गोंय**		
i.	MPT चे धक्के कर्नाटकातल्या JSW उर्जा कंपनी खातीर कोळसो आयात करुंक वापरतले. गोंयाक हाचे लुकसाण जावपाक जायना. गोंय कोळश्याचे कॉरीडॉयर करुंक आमी विरोध करतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	ईआयए निरीक्षण व्यापक आसपाक जांय, विघटीत न्हय. विघटीत प्रभाव मुल्यांकन हे भ्रामक आनी	प्रस्न नेमको ना.

	दीशाभूल करपी आसा.	
iii.	कालवो खोल करपा खातीर केल्ल्या ड्रेजींगाक लागुन हया आदीच जैवविवीधताय नश्ट केल्या. MPT क ड्रेजींग करपाक परवानगी दिवपाक जायना.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
iv.	प्रवेश कालवो खोल करपाचेर प्रकल्प निंबुन आसा. जेन्ना प्रकल्प एकामेकांचेर निंबुन आसात जाल्यार भोवशीक सुनावणी वेगवेगळी कित्याक निश्चीत केल्या.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
v.	"अतिरीक्त जमीन आनी बंदराचो आस्पाव ना" हे भ्रामक आसा कारण MPT वरवी बंदराचे ड्रेजींग करपाचेर हो प्रकल्प निंबुन आसा आनी ताचे तांच्या जोड परिणामांचेर भासाभास करुंक ना.	निरीक्षण योग्य ना. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.
vi.	कोळसो प्रदुशणाक लागुन आमी वास्कोत नितळ हवा घेवपाक शकनात. वास्को MPT बंदरातल्यान कोळसो आयात बेगोबेग थांबोवपाक जाय.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
vii.	भूजलात कॉलीफॉर्म आसप हांतुतल्यान भूजलाचे प्रदुशण सिद्ध जाता.	सद्याच्या वावरात प्रक्रीया करुंक नाशिल्ले सांड उदक सोडीनात आनी क्षमताय वाड प्रकल्पात ताची शक्यताय ना. कॉलीफॉर्माची हाजेरी प्रकरण 3, विभाग 3.11, कोश्टक 3.6, पान क्र. 3-10 हया पर्यावरणीय आधारभूत अभ्यासात दिला.
viii.	मडकय, शिरदोणा, बांबोळी, नावशी, काणका, ओशेल, दोना पावला आनी करंजाळेतल्या नुस्तेमारी लोकसंख्येक ईआयए अभ्यासातल्यान भायर दवरल्यात.	प्रकल्प क्षेत्राच्या 10 किमी परिघाचो नुस्तेमारी कडेन संबंधीत डेटा पर्यावरणीय आधारभूत दस्ताऐवजाचो वाटो म्हण गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालकाच्या नुस्तेमारी अहवालातल्यान घेतला. म्हायती तपासतले आनी निमाण्या ईआयए अहवालात नोंद करतले.
ix.	कार्यवाहीक लागुन जहाजांची हालचाल, तैल फैलाव आनी म्हाल हाताळणी आनी हस्तंतरण हाका लागुन जावपी वायु, उदक, आवाज हया पर्यावरण प्रदुशणाचे स्रोत ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 4 त दिल्यात. हाका लागुन प्रकल्प न्हयकारुंक जाय.	प्रकल्पाच्या सगल्या वावराक लागुन जावपी वायु, उदक, आवाजाच्या प्रदुशणाचो परिणाम, मुल्यांकन आनी शमन उपाय प्रकरण 4 त दिल्यात. मात टर्मीनलाच्या समुद्रा वटेन बदल प्रस्तावीत नाशिल्ल्यान, प्रस्तावीत अतिरीक्त/बदलिल्ल्या सागरी वावराक लागुन उल्लेखनीय न्हयकारी परिणामाची शक्यताय ना
x.	बार्जी तांचो कोयर आनी इंधन मांडवी आनी झुवारी न्हंयेत सोडतात. बार्जीतले उरिल्ले खनीज, हयो न्हंयो आनी कुंभारजुवा न्हंयेत सोडतात. बार्जी न्हंयत धुवातात आनी हाका लागुन प्रदुशण जाता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xi.	बार्जी वरवी खनीजाची येरादारी जाता थंय मांडवी आनी झुवारी न्हंयेत नुस्तेमा-यां खातीर मर्यादा आसात.	सागरी/उदका वटेनच्या वावराचे नियंत्रण MPT करता, कारण बंदराचे संवर्धनाचो वावर तांच्या कडेन आसा. सुचालन, जहाजांची सुवात बदलप आनी हेर संबंधीत वावराचेर आमचे नियंत्रण ना.
xii.	गोंयातल्या खंयच्या वाठारातल्यान कोळश्याचेर फवारणी करुंक उदक हाल्तले. फवारणी करुंक कितल्या उदकाची गरज आसा.	ईआयए अहवाल, प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5.3.2, पान 5-15 त नमुद केल्ले प्रमाण उदकाची वट्ट गरज 500 kld आसा. टर्मीनल सद्या MPT च्या STP कडल्यान 200-250 kld प्रक्रीया केल्ले सांड उदक वापरता. धुल्ल दमना खातीर अतिरीक्त प्रमाणातले उदक PWD चलयता त्या बायणातल्या सद्या कार्यरत आशिल्ल्या 2300 kld CETP तल्यान घेवपाचे थारायला.
xiii.	गोंयात खंय तेलाच्या कोयराचो विलो लायतले.	धोकादायक आनी हेर कोयर नेम, 2016 त नमुद केल्ल्यो प्रथा आनी प्रक्रीया पाळुन तयार जाल्लो

		तेलाचो कोयर GSPCB च्या अधिकृत विक्रीत्याक दितात.
xiv.	गोंयात खंय घन कोयराचो विलो लायतले.	तयार जाल्लो घन कोयर विलो लावपाक मुरगाव नगरपालीका मंडळाक (MMC) सोपयतात.
xv.	तैल फैलावाचो किनारी वाठाराचेर परिणाम आनी सागरी संवेदनशील क्षेत्राची हानी हे सामके खरे आसा. वयर दिल्ल्या मुद्दयांचेर आमी MPT च्या धक्को क्र. 5a आनी 6a ची SWPL वरवी टर्मीनल क्षमताय वाड करपाक आमी खर विरोध करतात.	तेलाच्या कार्गोंची सद्या हाताळणी जायना, आनी क्षमताय वाडीचो वाटो म्हण ती हाताळपाचो प्रस्ताव ना.
25. मॅगी सिल्वेरा, भारत मुक्ती मोर्चा, दिवाडी, गोंय.		
i.	JSW क धुल्ल दमना खातीर दर दिसा 3 लाख लीटर उदक आनी अग्नीशमना खातीर अतिरीक्त 1 लाख उदकाची गरज आसतली. ताचो 12 म्हयन्या खातीर वर्सुकी गरजे प्रमाण गुणाकार केला जे असामान्यपणान खुप आसा. हे मान्य ना. कितल्याश्याच कुटुंबांक आनी शाळेतल्या भुरग्यांक व्हांवते उदक मेळना. जाल्यार ते म्हणतात की कोळश्याच्या धुल्ल दमना खातीर सांड उदक वापरतले.	ईआयए अहवाल, प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5.3.2, पान 5-15 त नमुद केल्ले प्रमाण उदकाची वट्ट गरज 500 kld आसा. टर्मीनल सद्या MPT च्या STP कडल्यान 200-250 kld प्रक्रीया केल्ले सांड उदक वापरता. धुल्ल दमना खातीर अतिरीक्त उदक PWD च्या सद्या बायणात कार्यरत आशिल्ल्या 2300 kld CETP कडल्यान मेळोवपाचो प्रस्ताव आसा.
ii.	गोंय प्रदूशीत करपाची JSW क मान्यताय दिल्या कारण गोंय सरकार स्वताच प्रदूशीत आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	कोळसो प्रदूशणाक लागुन JSW क वास्कोत विनाश करपाक दिवप ही लजेची गजाल आसा.	
iv.	JSW न आपले ऑपरेशन्स बंद करुंक जाय आनी गोंयातल्यान भायर वचपाक जाय.	
26. ज्युडीथ आल्मेदा, कोलवा, साश्ट, गोंय		
i.	प्रदूशण नियंत्रण मंडळ कितलीशीच वर्सा गोंयात मायनींग धुल्ल प्रदुशण आडावपाक शकले ना. कोळसो प्रदुशणाचे नियंत्रण ते कशे करतले? लोक फुफुसांची दुयेसां आनी क्रांक्राक लागुन पीडा सोसतात आनी मरतात. हाचेर कीते आभ्यास वा डेटा एकठाय केला.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	कोळसो मिनेरांक तांच्या कोळसो धुल्ला सयत राज्यात हाडच्या आदी मायनींग आनी हेर उद्देगीक कोयराक लागून सध्या जाता त्या विध्वंसाच्या प्रदुशणाचे नियंत्रण करुंक GSPCB न पयली शिकपाक जाय. आनी जर तुमी हे करुंक शकनात जाल्यार हाव कोळश्याक ना म्हणता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
27. दो. सबिना मार्टीन्स, पणजी, गोंय.		
i.	कोळसो आनी हेर संबंधीक वावराक लागून कार्बन कण हवेत फाफसतले आनी हाका लागुन गंभीर वायु प्रदुशण जातले. कार्बन प्रदूशकांक लागुन श्वसन आनी भलायकेचे गंभीर प्रस्न जातले.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.

ii.	साठो करुन दवरिल्ल्यान उजो लागपाक शकता आनी ताचो परिणाम म्हणून भलायकेचो गंभीर परिणाम जांवपाक शकता. उदकांचो वापर करुन उजो पालवयल्यार कोयराचे उदक व्हावपाक शकता आनी अवजड धातूंक लागून भूजल दूशीत जांवपाक शकता. नुस्त्यांनी खाल्ले अवजड धातू आमच्या अन्न साखळेत प्रवेश करतले आनी लोकांनी खाल्ल्यान ताचे अवजड धातू वीख जातले.	SWPL त हाताळतात त्या कोळश्यात मुळातच आर्द्रता आसता, धुल्ल दमना खातीर आनी केन्नाय उजो लागल्यार तो पालोवच्या खातीर नियंत्रीत पद्धतीन अतिरीक्त उदकाची फवारणी करतात. हे उदक पुरायपणान म्हाल शोशुन घेता. उदक फवारणी /फॉगींग आनी अग्नीशमन वावराक लागुन घाण उदक तयार जावचे ना. मान्सुन तशेच हेर सुक्या मोसमात म्हाल धांपील्ल्या स्थीतीत साठोवन दवरतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन व्हांवपी उदक तयार जाता जे साठो (स्थायीक) तळ्यात एकठाय करतात, जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.
iii.	ड्रेजींगाक लागून नुस्त्याच्या प्रजननाचो -हास जातलो आनी ताका लागून नुस्तेमार समुदायाच्या येणावळीक तोटो जातलो.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
iv.	कोळसो हबाक लागून निश्चीतपणान सामान्य लोकांच्या जीवीताच्या दर्ज्याचेर परिणाम जातलो.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
28. दो. सबीना मार्टीन्स, बायलांचो साद, पर्वरी, बार्देज, गॉय.		
i.	ड्रेजींगाक लागून सागरी जीवीताच्या प्रजननाचो -हास जातलो, जे जायती बायलां आनी कुटुंबाचो उपदजिलीकेचो स्रोत आसा. जायती बांयला शेलफीश एकठाय करुन विकतात.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
ii.	कोळसो येरादारीक लागून कोळश्याचे प्रदूशण जातले आनी भलायकेच्यो समस्या आनी दुर्येसा जातली. श्वसनाच्या मार्गाचो संसर्ग, अस्थमा, खोकलो, दमो आदी कोळसो प्रदूशणाक लागून जाता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	काळे कण बशील्ल्यान ते निवळ करपाचे काम वाडतले. कपडे, फर्नीचर, जमीन, रांदपाची आयदना, घरातल्यो वस्तू जशे की फ्रीज, कंप्युटर आदींचेर बशील्ल्या कार्बन कणां खातीर भरपुर सांबाळ वेळ लागता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
29. डॉ. सबीना मार्टीन्स, गोवा बचाव अभीयान (GBA), पणजी, गॉय.		
i..	ड्रेजींगाक लागून सागरी जिवीताचेर गंभीर परिणाम जातलो, जे थळाव्या समुदायाचे उपजिवीकेचे साधन आसा. थळावी बायलां शेलफीशाचेर निंबुन आसात जाचो -हास जातलो.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
ii.	गॉयचो जैव संवेदनशील वाठार कोळसो प्रदूशणा कडल्यान राखचो अशी मागणी GBA करता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	कोळश्याक लागून जावपी वायु आनी उदकाचे प्रदूशण थांबोवपाक बेगोबेग पावला मारची अशी GBA ची GSPCB कडेन मागणी आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iv.	राज्य आनी केंद्रीय अधिकारणीन मुखार मांडिल्ले मुद्दे लक्षात घेवचे आनी ड्रेजींग, कोळसो हब स्थापन करप आनी कोळसो येरादारी थांबोवची अशी GBA ची GSPCB कडेन मागणी आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
30. कृष्णा साळकार, नगरसेवक, मुरगांव.		

i.	कोळसो येरादारी आनी साठ्याचे हे आदीच पर्यावरणाचेर विपरित परिणाम जाल्यात. वायु आनी आवाज प्रदुशणात वाड (ट्रकां वरवी जावपी कोळसो येरादारी). धुल्लाच्या प्रदूशणाक लागून जांयते भलायकेचे प्रस्न उप्रासतात.	सद्याच्या वावरात तशेच प्रस्तावीत क्षमताय वाड स्थीती रस्त्यावेल्यान म्हालाची येरादारी करपाचो प्रस्ताव ना.
ii.	उदरगत जरी महत्वाची आसली तरीय ती करुंक फावो ना जेन्ना ती पर्यावरणीय नदरेन शाश्वत ना आनी मनश्याच्या भलायकेचेर परिणाम करता - फक्त वास्कोचेच फुडले पिळगेचेर न्हय जाल्यार पुराय गोंयचे. कोळसो ऑपरेशन्साच्या प्रस्तावीत विस्ताराचो हांव खर विरोध करता आनी वास्को/गोंय कोळसो हब करपाच्या विचाराच्या विरोधात आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
31. मुरारी बांदेकार, नगरसेवक, मुरगांव.		
i.	बंदराचो विस्तार केल्यार कोळश्याची येरादारी वाडतली जाचो परिणाम म्हणून कोळश्याचे प्रदूशण जातले आनी फुफुसांच्या कांक्रांचे ते एक गंभीर कारण आसतले.	कोळश्याची धापिल्ल्या रेल्वे वाहकात येरादारी करतात. लोडींग वावर जालो तशे रोखडेच इन-मोशन वेगोन लोडींग यंत्रणा, योग्य तरेन राजून सुरक्षीत करुन बेगोबेग आनी आपचलीत रितीन म्हाल गाडी धांपतात, हाका लागुन म्हाल भायर सरपाची कसलीय शक्यताय उरना. प्रकल्प प्रस्तावक हो वावर एकदम कडकपणान करतात.
ii.	बंदराचो विस्तार करच्या खातीर ड्रेजींग करचे पडतले जाका लागून निवासी इमारती, घरां हांका खुप मार बसतलो आनी बेगीन मोडून पडतली. विस्तार शक्य ना आनी किना-याचेर ड्रेजींग खर्चीक आनी मनश्यांक धोक्याचे आसा.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
32. अभीजित प्रभूदेसाय, कुडतरी, गोंय.		
i.	सगल्या 3 प्रकल्पांचो ईआयए अहवाल अपुरो आसा आनी सकयल्या आधाराचेर तो करुंक जाय: • आदली बांधकामा, ड्रेजींगाची कामां, सीआरझेड आनी हेर मान्यताय, आदलो अभ्यास आनी अहवालाचे संदर्भ घेवचे आनी ते अभ्यासात आस्पावीत करचे. • झीजीचो अभ्यास आनी सायड स्कॅन सर्वेक्षण करचे.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
26. अभीजित प्रभूदेसाय, कुडतरी, गोंय.		
i.	कोळसो धक्को आनी हेर घाण /धोकादायक वावर वास्को शारा भायर व्हरात, आनी MPT न सद्याच्यो साधनसुविधा थळावो समुदाय आनी पर्यटनाच्या उदरगती खातीर परतुन दिवपाचेर काम करचे.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	PSUs च्या निर्णया वांगडाच खासगी वाठाराकय थर्मल कोळश्याची आयात बंद करपाचेर विनोवुंक जाय.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	हे प्रकल्प कोळसो क्षमताय वाडीखातीर आसुनय ईआयए अहवालात, ग्लोबल वॉर्मींग, हवामान बदल जीवाश्म इंधन, समुद्री पांवड्यात वाड हांचो एकूय उल्लेख ना.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो बंदर टर्मीनलाचेर कोळसो हाताळपा आसा. उपकरणांचे आधुनीकीकरण आनी सद्याच्या क्षमतायेचो बरो वापर हाका लागुन क्षमताय वाड हो प्रस्तावीत ब-या कार्यक्षमतायेचो

		परिणाम आसा. ग्लॉबल हवामान बदल प्रस्नाक संबोधीत करप ईआयए शीमेच्या भायर आसा.
iv.	लोकांचे आनी खासा करुन वास्कोतल्या नागरीकांचे आनी कोळसो प्रदूशणाक लागून मार बशिल्ले आनी प्रकल्पाक मान्यताय दिल्यार ज्या नुस्तेमा-यांची उपजीवीका आनी घरां नश्ट जातली तांचे कडेन सल्लो मसलत करच्या आदीच ह्या प्रकल्पाचे नियोजन केला आनी कार्यवाही सुरु केल्या.	निरीक्षण बरोबर ना. ईआयए अधिसूचोवणी, 2006 (दुरुस्ती) च्या तजवीजी प्रमाण ह्या आदी EC च्या प्रक्रीयेचो भाग म्हण MPT तल्या प्रकल्पा खातीर भोवशीक सल्लोमसलत केल्या.
v.	आदल्या ड्रेजींगाक लागून खारीवाडो किना-याची गंभीर झीज जाल्या. रुमडावाड्यावेलीं पलसणां कोसळपाक प्रवण दॅवतेचो भंय मतीत घेतलो ना.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
vi.	सद्याच्या कोळसो हाताळणीक लागून जावपी वायु प्रदुशणाचो इतीहास ईआयए अहवालात ना. GSPCB न MPT क कोळसो हाताळणी 25 % उणी करपाचो निर्देश दिला. हाका लागून कोळसो क्षमतायेचो विस्तार मतीत घेवपाक मोळना.	GSPCB च्या निर्देशांक आवश्यक अनुपालन योग्य रितीन आनी बेगोबेग केल्ले आनी योग्य प्रक्रियेक पाळो दिवन प्रस्न सोडयिल्लो.
vii.	प्रवेश कालवो आनी धक्को 8, 9 आनी बार्ज धक्क्याच्या पुनर्वीकासा खातीरच्या ईआयए अहवालात दिल्ल्या तज्ञांच्या वळेरेत अशे दिसून आयला की तांचेर सय करुंक ना. धक्को 5A, 6a वाडीच्या ईआयए अहवालात तज्ञांच्यो सयो आनी घोशणापत्र ना. खंयच्या ईआयए अहवालात CRZ, भूगोल, हायड्रोजीओलोजी आनी हायड्रोलोजी खातीरच्या तज्ञांची वळेरी ना.	WAPCOS हे QCI NABET चे मान्यतायप्राप्त सल्लागार, तांका कीतल्याश्याच प्रकारच्या प्रकल्पांत अणभव आसा. संबंधीत तज्ञांचो सहभाग आनी मान्यताय प्राप्त ToRs च्या चौकटेतल्या कुशळतायेत ईआयए केला.
viii.	व्हडा प्रमाणात पोलीस दळांच्या हाजेरीत भंयाचे वातावरण तयार करुन भोवशीक सुनावणी घेतात. त्याच दिसा इतीवृत्त तयार करपाक अपेस आयिल्ल्यान अपुर्ण आनी चुकीचे इतीवृत्त तयार जाला जे फक्त व्हीडीओ चित्रीकरण पळोवनच समा करुंक शकतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ix.	ईआयए अधिसुचोवणे खालची पुर्ण प्रक्रिया निश्काळजीपणान आनी गंभीरपणा बगर केल्या, हाका लागून सरकारान श्रीमंत कोर्पोरेटां खातीर प्रस्तावीत ह्या प्रकल्पांक मान्यताय दिवपाचे हे आदीच थारायला अशे दिसता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
x.	प्रवेश कालवो आनी वळसो पात्राच्या प्रस्तावीत ड्रेजींगात 15 mt कॅपीटल ड्रेजींग आनी 6 mt सांबाळ ड्रेजींगाचो आस्पाव आसा. 6 mt च्या सांबाळ ड्रेजींगाक लागून बेन्शीक समुदाय केन्नाच परतुन प्राप्त जावचो ना आनी सागरी पर्यावरण आनी झुवारी न्हयच्या पुराय मुखातली नुस्तेमारी कायमची नश्ट जातली, मात हो गंभीर परिणाम मतीत घेवंक ना.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
xi.	रेल्वे आनी रस्त्यान कोळश्याची येरादारी केल्यार जावपी परिणामांचेर ईआयए अहवाल दुर्लक्ष करता. क्षणीक कोळसो धुल्लाचे प्रदूशण आनी येरादारीक लागून वाडिल्ल्या डिजेल प्रदुशणाचे कोळसो कॉरीडोरात रावपी लोकांची भलायकी, उपजिवीका आनी तांच्या कृशी क्षेत्राचेर जाल्ले परिणाम मतीत घेवपाक अहवालात अपेस आयला.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
xii.	पुराय प्रक्रिया बेकायदेशीर आनी सुरवे सावनच शून्य आसा कारण आदीच केल्ल्या बेकायदेशीर ड्रेजींगाक पर्यावरण कायद्या खाला कार्योत्तर मान्यताय दिवपाक जायना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xiii.	वास्को शाराक उच्च धोको आसा कारण कितलोसोच स्फोटक म्हाल हांगा हाताळतात आनी ताचो साठो जाता, जांतुत अमोनीया, पेट्रोलीयम उत्पादना, कोळसो आनी लाकडाच्या तुकड्यांचो आस्पाव आसा.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.

xiv.	एकोड्या प्रकल्पाचे अदीक प्रकल्पात तुकडे करुन प्रस्तावकांनी कायद्याक फटयला.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xv.	सांबाळ ड्रेजींगाचो बेन्थीक समुदाया वांगडा संबंध, बेन्थीक समुदायाचो नुस्तेमारी बरोबरचो संबंध आनी नुस्तेमारीचो नुस्तेमा-यांच्या उपजिवीके कडलो संबंध निश्चित करुंक जाय जाका लागून परिणाम मुल्यांकन करपाक जातले.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
xvi	सगल्या 3 फॉर्म I त पुरायपणान फटींगपणा आसात आनी ईआयए अभ्यास मान्य ना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xvii.	प्रवेश कालवो खोल करपाच्या ईआयए अहवालात अशे म्हळा की एमपीटी वाठाराच्या 10 किमी क्षेत्रात किनारी झीज जांवक ना हे पुरायपणान फट आसा. हो प्रकल्प सोडुन दिवचो आनी गोंयात कोळसो हाडपाचो विचार बंद करचो अशे आवाहन करता.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
27. कांसावली ग्रामस्थ कृती समिती, गोंय - प्रिशीला फेर्नांनडीस आनी आंतोनीयो फेर्नांनडीस.		
i.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 प्रमाण ईआयए अहवालाचो पुराय मसुदो थळाव्या भाशेत, कोंकणीत आमच्या कासांवली, आरोशी, कुयेली ग्राम पंचायतीत मेळुंक ना.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
28. सुरेश बर्वे, वास्को.		
i.	चिखले, चिकोळणा आनी सांकवाळे गांवातल्या पंचायतीत उपलब्ध आशिल्लो ईआयए अहवाल पळोवपाक न्हयकार दिलो. प्रत आरटीआय खाला मागची असो सल्लो म्हाका पंचायतीतल्या कर्मचा-यांनी दिलो. हया पंचायतींक बरयील्ले पत्र जोडलां.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	थळाव्या भाशेत ईआयए अहवालाचो मसुदो भोवशीक छाननी खातीर उपलब्ध करुन दिंवक ना जी ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 खाला आवश्यकताय आसा.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
29. डायना तावारीस, मडगांव, गोंय.		
i.	हया 3 प्रकल्पा खातीरचो ईआयए अहवाल गुन्यावकारी, फटींग, पुरायपणान लोक विरोधी आनी पर्यावरण विरोधी आसा. गोंयात सल्लोमसलत करिनास्तना घाण कोळसो गोंयात हाडपाचो निर्णय कशे घेवपाक शकतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	पयल्या वर्सा 15mts ड्रेजींग आनी त्या उपरांत दर वर्सा 6Mt ड्रेजींग जातले, जाचो अर्थ ते सागरी पर्यावरण, नुस्ते, समुद्री सस्तान आदी मारुन वडयतले, खारीवाडो किनारो ना जावप, सडा दोंगुल्ली कोसळप आदी हजारांनी जाणांक विस्थापीत करतात.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
iii.	MPT चो कोळसो साठो अमोनीया टाकयांक लागुन आशिल्ल्यान आपत्ती वेवस्थापन आराखडो ना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.

iv.	कोळश्यान तयार केल्ल्या ग्लॉबल वॉर्मींगा आड झुजपाची आमची फुडले पिळगे कडेन लागणुक आसा. MPT तलां कोळसो पुरायपणान काडुन वडोवपाक जाय.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
v.	2016 वर्साच्या सुरवेक MPT न केल्ल्या बेकायदेशीर ड्रेजींगाक लागुन कसलीय मान्यताय मेळोवपाक तांका अपात्र थारायता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
vi.	6 न्हयांचे ड्रेजींग करुन गोंयाक कोळसो हबात रुपांतरीत करपाक MPT प्रकल्पांची अंमलबजावणी करता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
vii.	ह्या प्रकल्पाचो सगल्यात चड बेकायदेशीर आनी असंवीधानीक पैलू म्हळ्यार जींदाल, अदानी आनी वेदांता खातीर येरादारीचे शुल्क उणे करप.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
30. संजय रेडकार, नीज गोंयकार फौज, पट्टोंग बायणा, वास्को.		
i.	ड्रेजींग आनी वर्सुकी सांबाळ ड्रेजींगाक लागुन पर्यावरण आनी मीनवी वस्तींचेर व्हडा प्रमाणात पालसणां कोसळतली. सुरवेचे 15 दशलक्ष m3 ड्रेजींग आनी त्या उपरांत वर्सुकी 6 दशलक्ष m3 ड्रेजींगाचो परिणाम म्हणुन पर्यावरणाची महत्वाची कायम हानी जातली. चिखले खाडीतले आमचे दायज आनी जैवविवीधतायेचेर परिणाम.	आमचं आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
ii.	सगलो एकोडो प्रकल्प म्हण एकठाय परिणाम मुल्यांकन आनी वेगवेगळे प्रकल्प म्हण न्हय. सगले 3 प्रकल्प एकमेकांचेर निंबुन आसात आनी एक प्रकल्प म्हण मानचे. धक्क्याचो विस्तार, ड्रेजींग आनी कोळसो वाड प्रकल्पाचो आमी एकठायपण विरोध करतात.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
31. शारधा आमोणकर, नगरसेवक, वास्को		
i.	बंदराचो विस्तार केल्यार कोळश्याची येरादारी वाडतली जाचो परिणाम म्हणून कोळश्याचे प्रदूशण जातले आनी फुफुसांच्या कांक्रांचे ते एक गंभीर कारण आसतले.	प्रस्तावक आपल्या बंदर टर्मीनलाचो विस्तार करीना.
ii.	बंदराचो विस्तार करच्या खातीर ड्रेजींग करचे पडतले जाका लागून निवासी इमारती, घरां हांका खुप मार बसतलो आनी बेगीन मोडून पडतली. विस्तार शक्य ना आनी किना-याचेर ड्रेजींग खर्चीक आनी मनश्यांक धोक्याचे आसा.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना
32. कल्याणी मांद्रेकर, बायणा ग्राम, वास्को.		
i.	• SWPL ही कंपनी आसा जीणे धाकली युनीट जशे की हॉटेलां, गॅस्ट हावज हांका मजत केल्या. • अतिरीक्त येणावळीक लागुन गावांची अर्थीक स्थीती सुधारता.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात. प्रकल्प क्षेत्राच्या सामाजीक - अर्थीक आनी पर्यावरणीय उदरगती खातीरच्या CSR वावरा खातीर

		SWPL बांधील आसा. SWPL न फुडल्या 5 वर्सात रु. 825 लाखाचे नियोजन केलां.
33. मोहमद सी., वास्को		
i.	• SWPL ही कंपनी आसा जीणे स्वच्छ भारत अभीयानात वाटो घेतला. • CSR च्या वाठारात, सडा, बोगदा आनी बायणा गावांतल्या वेगवेगळ्या सुवातांनी कोयराचे डबे स्थापीत केल्यात. • SWPL न वास्को शाराचो सौंदर्यशास्त्रीय देखावो वाडोवपाक मजत केल्या आनी नितळ सवयो रुजयल्यात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात. प्रकल्प क्षेत्राच्या सामाजीक - अर्थीक आनी पर्यावरणीय उदरगती खातीरच्या CSR वावरा खातीर SWPL बांधील आसा. SWPL न फुडल्या 5 वर्सात रु. 825 लाखाचे नियोजन केलां.
34. राहुल बसू, गोवा फांवडेशन, म्हापसा		
i.	एका प्रकल्पाची एकामेकांक जोडील्ल्या भोव प्रकल्पांत विभागणी करपाक विरोध करता. हो प्रकल्प MPT चो सुचालन कालवो केपसायझ जहाजां खातीर खोल करपा कडेन आनी धक्को क्रमांक 8, 9 आनी बार्ज धक्क्याच्या पुनर्विकासाकडेन जोडिल्लो आसा. तशेच सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे आनी राश्ट्रीय म्हामार्गाचे दोट्टीकरण आनी गोंयातल्या स न्हयांच्या राश्ट्रीयकरणा कडेन जोडिल्ले आसा.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
ii.	फॉर्म I: फॉर्म 1 चेर PP न सय करुंक ना, ताजेर VP (प्रकल्प) JSW इन्फ्रा हांणी सय केल्या, हाका लागुन पुराय फॉर्म 1 अवैध थारता.	VP (प्रकल्प) JSW साधनसुवीधा SWPL प्रकल्पांचे, प्रकल्प मुखेली.
iii.	फॉर्म I तली चुकिची म्हायती: • Para III (7), संरक्षण स्थापना: प्रकल्पाच्या 15 किमी हवाई अंतरा भीतर कितलीशीच स्थापना आसात. देखीक INS हंसा, INS मांडवी. • Para III (8), दाट लोकवस्तीचे क्षेत्र: MPT वास्को शाराच्या मध्यवर्थी वाठारात आसा आनी त्याच खातीर ते क्रुज टर्मीनल बंदरांत रुपांतरीत करपाचो आनी सरभोवतण्या उण्या लोकवस्तीच्या वाठारात धोकादायक आनी घाणेरडे म्हाल हालोवपाचो प्रस्ताव सरकारान दवरील्लो. • Para III (9), क्षेत्र व्यापिल्ले आसा. • संवेदनशील सस्तन प्रण्याचो भुंय वापर: MPT चे स्वताचे हॉस्पीटल आसा आनी वास्को शार आनी प्रकल्पाच्या सरभोवतणच्या वाठारात जायती हॉस्पीटलां आसात. • Para III (10), महत्वाची उच्च दर्ज्याची स्रोतां आशिल्ले वाठार: ते खुप आसात. देखीक, चिखली खाडी, फक्त 2 किमी पयसुल्ली न्हय वींडोपॅन ओयस्टर खातीर फामाद आसा जे नामशेश जावपाक लागी पावला. ग्रेन्ड जुव्याचेर उच्च जैवविवीधतायेचे कोरल रीफ आसात.	2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.

	• Para III (11), हे आदीच प्रदुशण जाल्ले वाठार: सद्याचे कोळ्ो हाताळणी धक्के हया गटांत येतात. रेल्वे धांपील्ल्यो गाडयो वापरीना, हाका लागुन सगलो वाठार प्रदुशीत जाता. न्हयचे उदक पेंवपाक योग्य ना.	निरीक्षण बरोबर ना.
iv.	ईआयए मसुदो अहवाल- • धक्को 5-6 खातीरच्या ईआयए त अत्यंत धोक्याचो उल्लेख ना. लागसरच्या वाठारात अमोनीया टाकी आसा तशेच POL हाताळपी पायपलायनी जांतुतल्या नाफ्ता सारखे ज्वलनशील पदार्थ व्हरतात. कोळसो साठे परत परत धुंवरेत आसतात. धुल्ल दमनाच्या गैरहाजेरेत, MPT कोळसो धुल्ल स्फोटाचो धोको घेता. • धक्को 8-9 खातीरच्या ईआयए मसुदो अहवालात पुर्णपणान धापिल्लो कोळसो साठो, अग्नीशमन आनी धुल्ल दमन यंत्रणे सयत सज्ज, प्रस्तावीत आसा. मात धक्को 5A, 6A खातीरच्या ईआयए अहवाल मसुद्यात अशी आवश्यकताय ना अशे म्हळां. जेन्ना विद्यमान पर्यावरणीय नेमांक पाळो दियनात तेन्ना विस्तारीकरणाचो विचार कसो करुंक शकतात.	• MSIHC नेम, 1989 (दुरुस्ती, 2000) प्रमाण प्रकल्पाच्या क्षमताय वाडीचो भाग म्हण कसलोच धोकादायक म्हाल हाताळपाचो प्रस्ताव ना. सद्याच्या आनी प्रस्तावीत वावराक लागुन कसल्योय ऑफसायट घडणुको (SWPL वाठाराच्या शीमे भायर परिणाम आसपी) जावपाची शक्यताय ना. कोळश्याच्या धुल्लाचो स्फोट असीमीत वातावरणात जायना. • निरीक्षण समा ना. धांपील्लो म्हाल, धुल्ल दमनाची हाजेरी आनी आग्नीशमन यंत्रणा सद्याच्या वावराचो भाग आसात.
v.	वायु दर्ज्या खातीर अभ्यास काळ हो फक्त मार्च ते मे मेरेन आसा. मात तो डिसेंबर - जानेवारी आसुंक जाय कारण हया काळात तापमान उणे आसता आनी धुल्ल दाट आसता. फक्त कांय अश्या सुवातीवेल्या डेटाचे विश्लेशण केलां जंय प्रदुशणाचो भार उणो आसा.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्ज्यांत केलां.
vi.	सागरी अभ्यास 2 दिसां भीतर पुराय केल्लो. हे अपुरे आसा.	समुद्री उदक मुल्यांकन APHA च्या मानक नेमांक पाळो दीवन सागरी डेटा एकठाय केला आनी ताचे विश्लेशण केला. *in-situ* डेटाचे बेगेबग सुवातेरच विश्लेशण केला आनी बाकीचे नमुने सांबाळुन दवरुन फुडल्या विश्लेशणा खातीर प्रयोगशाळेत धाडिल्ले.
vii.	पावसाच्या उदकातल्यान व्हावपी घाण उदक धोकादायक आसता. मात ताचे नियंत्रण आनी प्रक्रिया करुंक ना. मान्सुन काळात ते न्हंयेत व्हावन वता.	हेर मोसमा वरीच पावसाच्या दिसांनीय म्हालाचो साठो धांपिल्ल्या स्थीतीत करतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन व्हांवपी उदक तयार जाता जे डंप (स्थीर) तळ्यात एकठाय करतात, जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.
viii.	व्हडले मुद्दे: • सगल्या विस्तार प्रकल्पांत, इतीहासीक पर्यावरणीय वावर आनी अनुपाल अहवाल आनी हेर खंयचीय म्हायती मसुदो आनी अंतीम ईआयए वांगडा भोवशीक प्रगटीकरणाचो वाटो आसुंक जाय. • सगल्या प्रकल्पा खातीर, PP, संचालक आनी वरिश्ट अधिका-यांची 10 वर्सा काळाची पर्यावरणीय प्रणाली नोंद दिवपाक जाय, हे थारावपाक की ते वावरा खातीर उचित आनी योग्य लोक आसात कांय ना. • EIAs चडशे सहाय्यक अभ्यासाचेर निंबून आसात. सगले अभ्यास ईआयए मसुद्याचो वाटो म्हणुन उक्तो करुंक जाय. • अभ्यास आनी डेटा संकलना आदी लोकांक म्हायती दिवपाक जाय. मागीर ते तपासूंक शकतले की डेटा खरोच एकठाय केल्लो.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.

	• कंप्युटर कोडा सयत एकठाय केल्लो सगलो डेटा निकालाची तपासणी करच्या खातीर भोवशीक अधिकार क्षेत्रात दिवपाक जांय. • हे खंयच्याय सहाय्यक अभ्यासाकूय लागू जाता.	
35. पिटर सीरील आंद्राद, वास्को.		
i.	JSW आपली गोंयातली क्षमताय कर्नाटकांतल्या प्रकल्पां खातीर वाडयता. इतली वर्सा SWPL बंदराचो गोंयाक कसो लाव जाला आनी ह्या प्रकल्पाचो नागरीकांक कसो लाव जातलो.	हे टर्मीनल भारत सरकार आनी गोंय सरकाराच्या योग्य मान्यताय आनी कर कारभारा खाला वावर करता. ह्या वावराचो एक महत्वाचो सकारात्मक परिणाम म्हळ्यार थळावी रोजगार निर्मीती आनी दुय्यम वेवसाय. प्रकल्पाचे प्रस्तावक लागीच्या निवासी क्षेत्रात जनतेच्या फायद्या खातीर CSR वावर करता.
ii.	हे सुवीधेत कितल्या गोंयकारांक रोजगार दिला आनी वाडी उपरांत कितल्यांक रोजगार दिवपाचो प्रस्ताव आसा. अशे तरेच्या वावरातल्यान गोंय सरकार आनी MMC क कितलो महसुल मेळता.	SWPL टर्मीनलाचेर काम करपी सद्याच्या 400 कामगारांतले सुमार 60% कामगार गोंयकार आसात. प्रकल्प ब-या कार्यवाही कार्यक्षमतायेतल्यान तयार जाल्लो परिणाम स्वरुप वाड आशिल्ल्यान, प्रस्तावीत क्षमताय वाडीच्या अंमलबजावणी उपरांत रोजगारांत उल्लेखनीय अशी वाड नासतली. भारत सरकार आनी MMC क फारीक केल्ल्या महसुला कडेन संबंधीत प्रस्न, योग्य मार्गान विचारल्यार कंपंनी ताची जाप दिवपाक शकता, कारण ती संवेदनशील/गुप्त गटां खाला आसुंक शकता आनी एकतर्फी पणान दीवपाक जायना.
iii.	GSPCB केल्ल्या AAQM तली निरीक्षणां ईआयए अहवालाच्या मसुद्यांत आस्पावीत ना. ईआयए अहवालात नमुद केल्लो AAQM अहवाल चुकीचो आसा आनी अशे सुवातेच्या AAQM स्थानकांचेर केला जंय वायु प्रदुशणाचो पांवडो प्रभावीपणान नोंद जायना.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्ज्यात केलां.
iv.	प्रस्तावीत प्रकल्प सुवातेच्या सरभोवतणी नुस्तेमारी वावर जांयना हे निवेदन चूकिचे आसा अशे तांणे सांगला. नुस्तेमारी जहाजांच्या विस्ताराचेर अहवालात मौन आसा आनी खारीवाडा जेटी वेलो वावर ईआयए अहवालात ना.	निरीक्षण समा ना. बंदर ISPS सहत्व आशिल्ल्यान सुरक्षा कारणांक लागुन बंदर वाठार आनी लागसरच्या कालव्यात नुस्तेमारीक मान्यताय ना. खारीवाडा FLC वेल्या नुस्ते लॅंडीगाचो तपशील प्रकरण3: विभाग 3.19, पान क्र. 3.72 दिल्या.
v.	प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या सरभोवतणी कासवांची पिलां घालपाच्यो सुवातों ना ह्या ईआयए अहवालातल्या वक्तव्याचेर तांणी आक्षेप घेतला. कासवांचे बायणा किना-यार प्रजनन जाता आनी थंय तांती घालतात हाचो स्पश्ट पुरावो आसा अशे तांणी सांगला. हाचे वेल्यान असे दिसता की अयोग्य अभ्यास केला अशे तांणी म्हळा.	निरीक्षण समा ना. वेगवेगळे आनी सहज तांती घालपाच्यो घडणुकों कासवाची तांती घालपाच्यो सुवातों म्हणुन

		वर्गीकरण करुंक ना.
vi.	वास्को आनी सरभोवतण्या वाठारात कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन कोळसो प्रदूशण आसा हे सत्य ते न्हयकारुंक शकनात अशे तांणी म्हळां. SWPL च्यो वास्को शार, खारीवाडा, बायणा, चिखली आनी मंगोर हीलाचेर परिक्षण सुविधा ना?	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. GSPCB न निर्देश दिल्ल्या सुवातांचेर AAQची देखरेक केल्या आनी तांका ताचे निकाल नेमान दिल्यात.
vii.	SWPL चो ईआयए म्हणता की प्रकल्पाच्या 10 किमी परीघात फक्त 1540 नुस्तेकार सापडल्यात जांतुत वास्को शारांत 262, बायणांत 421, बोगमाळ्यार 109 आनी वेळसांव 348 नुस्तेकार आस्पाव आसा. नुस्तेकार संघटना म्हणता गोंयात 10000 नुस्तेकार आसात. SWPL न नुस्तेमार समुदायातल्या कितल्या लोकांक रोजगार दिला?	प्रकल्प सुवातेच्या 10 किमी परिघातलो नुस्तेमारी कडेन संबंधीत डेटा गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालक, नुस्तेमारी अहवालातल्यान पर्यावरणीय मुलभूत दस्ताऐवजातल्यान घेतला. बंदर टर्मीनल वावर हो उच्च विशीश्ट उद्देगीक वावर आसा जांतुत संबंधीत, नोकरेची -विशिश्ट पात्रताय, प्रशीक्षण आनी कुशळतायेची गरज आसा. मात, SWPL थळाव्या रोजगाराक सदाच प्राधान्य दिता.
viii.	EIA मुद्दाम अशे दाखयता की थळाव्या नुस्तेमारीचेर सामको उणो परिणाम जाता. प्रकल्प सुवाते कडल्यान खारीवाडो, बायणा, बोगमाळो किना-या वेली नुस्ते देवोवपाची केंद्रा कितल्या अंतराचेर आसात हाचो उल्लेख ना.	नुस्ते लँडींगाचो तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.19, पान क्र. 3.72 त दिला.
ix.	MMC त खुप व्हडली लोकसंख्या आनी उद्देग आसात जशे की बंदर, रेल्वे, तेलाच्यो टाकयो, अमोनीया टाकयो, फोस्फेरीक एसीड टाकयो, कोळसो साठो, लाकडाच्या तुकड्यांचो साठो. मात ईआयए अहवालात म्हळां की भूजल दर्जो खुप बरो आसा. धुल्ल दमन उपायांक लागुन भूजल प्रदुशण जांवपाक शकता अशे ईआयए तज्ञ म्हणतात.	निरीक्षण समा ना. धुल्ल दमन वावराक लागुन भूजल प्रदूशीत जावपाची शक्यताय ना.
x.	MPT जांका कोळसो हाताळणी आनी साठ्याची उंची 7 m आनी धक्को क्र. 10/11 चेर धापिल्लो साठो राखप जमले ना, ते खात्री दिवपाक शकतात की उंची आनी हेर अटी घाल्यार प्रकल्प प्रस्तावक तांका पाळो दितले.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xi.	रेल्वे डब्यांक लागुन मनश्यां वरवी हाताळणी जाता ती रेल्वे क्रॉसींगां परत परत बंद जातली, जरी रेल्वेन क्रॉसींगाचेर पुल बांदपाचो प्रस्ताव दवरला तरी ते जावपाक वर्सा लागतली. ट्राकां वरवी म्हालाची येरादारी जाता म्हण शारांतल्या लोकांक त्रास जातात. खुप जाण म्हणतात की प्रदुशण हे वाहनांच्या येरादारीक लागुन जाता आनी कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन न्हय. ट्रेनी शारांतल्या वतात तेन्ना हॉर्नांचो आवाज आनी धातु एकामेकांक आदळीलल्यांनी जावपी आवाजाक लागून शाराक त्रास जाता आनी रेक्सांत वाड जाल्यार समस्या आनीक वाडतली.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xii.	ईआयए असो दावो करता की CSR खाला समाज सेवा केल्या मात आमच्या घरांक कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन मार बसला.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xiii.	रेल्वे लायनीच्या दोट्टीकरणाक लागुन मडगांव ते बंदर मेरेन लायनीच्या लागी आशिल्ली घरां ते मोडतले असो भंय आसा.	रेल्वे साधनसुवीधा हया प्रकल्पाच्या व्याप्तीत येना. रेल्वे दुपदरीकरण प्रस्तावीत क्षमताय वाडीचो भाग ना. म्हालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुवीधेत आस्पावन घेवपाक जाता.

xiv.	कोळश्याचे प्रमाण वाडोवपाक मान्यताय ना. हो अहवाल न्हयकारला आनी MPT तली पुराय कोळसो हाताळणी बेगोबेग बंद करची.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
36. संजय रेडकर, नीज गोंयकार फौज, पणजी, गोंय		
i.	प्रकल्पाच्या सुवातेच्या 10 किमी परिघात दाट लोकवस्तीचो निवासी वाठार आसा. वायु प्रदुशणाक लागुन प्रकल्पाच्या सरभोवतणच्या लोकांच्या भलायकेक धोको निर्माण जाता. उच्च निलंबीत कण श्वसनाची दुयेंसा अस्थमा, क्रोनीक ब्रोंकायटीस, कार्डीओवास्कुलर अशी दुयेसा वाडतात.	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.
ii.	सद्याची माल हाताळणी आनी सुक्या बल्क म्हालाच्या येरादारीक लागुन वास्कोत सदाच प्रदुशण तयार जाला आनी मुरगाव नगरपालीका मंडळान (MMC) जायत्यो कागाळी केल्यात आनी आक्षेप घेतल्यात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
iii.	एकठाय परीणाम मुल्यांकन हे एकोडो प्रकल्प म्हण जावचे आनी वेगवेगळे प्रकल्प म्हण न्हय. सगले 3 प्रकल्प एकामेकांचेर निंबुन आसात आनी ते एक प्रकल्प म्हण मानचे.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
iv.	सरभोवतणच्या वायु दर्ज्याच्या देखरेख स्थानकांच्या सुवातींचेर आक्षेप आसा, कारण तांतुतली चार दोंगुल्लेचेर आसात आनी वा-याच्या दीशेत ना.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबांब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात केलां.
37. श्रीमती. मेडेलायन पेरेरा, वास्को		
i.	कोळसो हाताळणीत वाड जाली जाल्यार पांवडो कीते आसतलो हाचेर आमी गंभीर भंय उक्तायतात. कोळसो प्रदुशण हे सवकास आनी मौन हत्यारो, कोळसो धुल्लाचे जे आमी श्वसन करतात ताचो परिणाम फुफुसांच्या कांक्रांत जाता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	हे तीनय प्रकल्प कोळसो वाडोवपा कडेन संबंधीत आसात. सिद्धांतीक नदरेन सगले प्रकल्प बरे दिसतात मात जे दाखयला त्या परस प्रत्यक्ष वस्तुस्थीत खुप पयस आसा आनी एक फावट प्रकल्प कार्यान्वीत जाल्या उपरांत प्रदुशणाच्या पांवड्याचेर कोण नदर दवरतलो.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
38. जॉर्जीया फियोला रेगो, आदली नगराध्यक्ष, MMC वास्को, 39 सयां सयत.		
i.	वायु प्रदुशण आनी भलायकी - वास्को शार आनी वयर दिल्लो हेर वाठार खर कोळसो प्रदुशण सोसता आनी गोंय प्रदुशण नियंत्रम मंडळान जारी केल्ल्या कितल्याश्याच कारणां दाखय नोटीस आनी काम बंद	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.

	कर आदेशा वेल्यान हे सत मान्य केला. कितल्याश्याच वर्सांच्यो जायत्यो नोटीशी आनी आदेशा उपरांतय MPT, अदानी आनी JSW हांका प्रदुशण आडावप शक्य जाले ना. कोळसो आयातीतली प्रस्तावीत वाड ह्या सगल्या गंभीर प्रदुशीत वाठारा खातीर भलायकी आनी पर्यावरणाची आपत्ती थारतली आनी म्हणुन हे पुरायपणान मान्य ना.	
ii.	नुस्त्यांचेर परिणाम - वास्को खाडी, झुवारी न्हंय आनी संबंधीत वाठारातले सागरी जिवीत आनी जैवविवीधताय भरपुर समृद्ध आसा आनी कोळसो विस्ताराक लागुन ताचो आनी खासा करुन प्रवाळी आनी संरक्षीत प्रजांती जशे की वींडो पॅन ऑयस्टर्स, डॉल्फीन्स आनी व्हेल हांचो विद्वंस जातलो आनी मुरगाव बंदराच्या प्रस्तावीत ड्रेजींगाक लागुन मुरगाव हार्बर आनी शेजाराच्या वाठारांतल्या नुस्तेमारीचो विद्वंस जातलो जांतुत वास्को खाडी, चिखली आनी सांकवाळे ह्या वाठाराचो आस्पाव आसा.	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. ईआयए अहवाल आनी तांच्या वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
iii.	नुस्तेमा-यांचे विस्थापन- कोळश्याच्या आयातीतली प्रस्तावीत वाड, ड्रेजींग आनी आवश्यक साधनसुविधांक लागुन गॉयचे नुस्तेमार समुदाय पुरायपणान विस्थापीत जातले. हे अभूतपुर्व विस्थापन ईआय़ए अभ्यासात नमुद लेगीत करुंक ना. ईआयए अभ्यासात विस्थापनाचे प्रमाण दिवपाचो आनी खारीवाडो, बायणा आनी देस्तेरोतल्या नुस्तेमार समुदायाक, जांका हे आदीच केल्ल्या बेकायदेशीर ड्रेजींगाचो आनी ह्या आदीच सुरु जाल्ल्या रस्तो बांधकामाचो थेट मार बसला तांका जावपी नुकसाणाचे प्रमाण दिवपांचो यत्न लेगीत करुंक ना. ह्या प्रकल्पाक लागुन बायणा, देस्तेरो आनी खारीवाड्यार ह्या आदीच शंभरा वयर नुस्तेमार कुटुंबाचे विस्थापन जाला ताची नोंद करपाक ईआयए अहवालात अपेस आयला.	ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
iv.	सावथ वेस्टर्न रेल्वे आनी NH17B आनी NH4 चे दुपदरीकरण - कोळश्याच्या प्रस्तावीत आयाती खातीरच सावथ वेस्टर्न रेल्वे रुळाचे दुपदरीकरण प्रस्तावीत आसा. दुस-या रेल्वे रुळाच्या बांधाकाम बगर हे प्रकल्प अर्थशून्य आसात. सद्याचो रेल्वे रुळ गॉयाच्या दाट लोकसंख्याच्या गावांतल्यान धावता आनी थऴयाव्या समुदायाच्या विस्थापना बगर दोट्टीकरण शक्य ना. NH 17B आनी NH 4A च्या वेगवेगळ्या विभागात चालु आशिल्ली कामां लेगीत अतिरीक्त कोळसो आयाती खातीर आसात, तरीय हे सत लेगीत लोकां कडल्यान लिपयला.	रेल्वे साधनसुवीधा ह्या प्रकल्पाच्या व्याप्तीत येना. रेल्वे दुपदरीकरण प्रस्तावीत क्षमताय वाडीचो भाग ना. म्हालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुवीधेत आस्पावन घेवपाक जाता.
39. संदीप मयेकार, अध्यक्ष, मुरगांव अवेन्यु सहकारी हावजींग सोसायटी लि. 26 सयां सयत		
i.	मुरगांव सहकारी हावजींग सोसायटीच्या रहीवाश्यांच्या वतीन आमी सकयल सय केल्ले अशे सांगुक सोदतात की आमच्या सोसायटी लागसार MPT करता त्या कोळसो, लोह खनीजा कडेन संबंधीत वावराक लागुन वायु प्रदुशणाचे संकश्ट आमी सोसतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	MPT वरवी जावपी कोळसो /लोह खनीज आदींचे लोडींग/अनलोडींग/ येरादारी ह्या वावराक लागुन कोळसो, लोह खनीजाचो धुल्ल तयार जाता आनी तो लागसारच्या वाठारात फाफसता. शासा करुन	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.

	रातच्या थंड वेळार वायु प्रदुशण आनी धुल्ल फाफसप अती जाता. हया व्यतीरीक्त, धुल्ल घरां आनी भोवशीक रस्ते /उक्त्या सुवातार फाफसता आनी सकयल बसता. रातच्या वेळार भोवशीक रस्त्यांचेर वाहनांची येरादारी जाता तेन्ना वायु प्रदुशण तयार करता.	आमची कसलीच लोह खनीज हाताळणी प्रस्तावीत ना.
iii.	हे वायु प्रदुशण लोकां खातीर गंभीर स्वरुपाचे आसा. हया संबाधान आमच्या सोसायटीतले रहिवाशी भलायके कडेन संबंधीत समस्यांक फुडो करतात. श्वसनाची दुर्यंसा जातली हया भयांन भुरगी भायर खेळपाक शकनात. हाका लागुन आमची जनेलां आनी दारां खुप वेळ बंद दवरप आमका सक्तीचे जाता, रहिवाश्यांच्या भलायकी कडेन संबंधीत पैलू मतीत घेवन ते आमका फायद्याचे ना.	NAAQS, 2009 चेर उत्सर्जनाचे संकेद्रकरणाचो भलायकेचेर परिणाम जाता अशे म्हणप चूकीचे.
iv.	आमच्या सोसायटीचे रहीवाशी आनी MPT वाठारात रावपी सामान्य जनतेक तोंड दीवचे पडता त्या गंभीर स्वरुपाच्या समस्येक लागुन आमी हे निवेदन सादर करतात. सुरवातेच्या पांवड्यार हयो समस्या सोडयल्ल्यार नागरीक फक्त श्वसनाच्या आनी हेर भलायकेच्या दुर्यंसा कडल्यान वाटावतले तशेच खासा करुन राष्ट्रीय हरीत लवाद आनी न्याय वेवस्थेन उंचा पांवड्यावेल्या प्रदुशणाचेर हुस्को उक्तायल्या उपरांत वाठारातले प्रदुशण नियंत्रणात दवरपाक मजत जातली.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
v.	प्रदुशण फाफसोवपाक आळाबंद हाडिल्ल्यान नीतळ आनी पांचवे गॉय करपात आमचे योगदान दिवपाक मजत जातली.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
40. हेन्रीक डिमेलो, सरपंच, वेळसाव, मुरगांव **41. मेघा गुलाटी, बायणा.** **42. टेरेन्स जॉर्ज, ईआयए स्रोत आनी प्रतीसाद केंद्र (ERC), पणजी, गोंय.**		
i.	सावथ वेस्ट पोर्ट ली. च्या क्षमताय वाड, प्रवेश कालवो खोल करप, धक्को क्र 8, 9 आनी बार्ज धक्क्याच्या पुनर्विकासा खातीरचो ईआयए अहवालाचो मसुदो भोवशीक छाननी खातीर थळाव्या भाशेत उपलब्ध करुंक ना, ईआय़ए अधिसुचोवणी, 2006 च्या सकयल्या कलमां खाला ते आवश्यक आसा. थळावो ईआयए अहवाल पणजेतले मध्यवर्ती वाचनालय, चिखली पंचायत आनी PCB च्या संकेतस्थळार उपलब्ध ना. ईआयए अहवालाच्या प्रमाण 10 किमी परिघात आशिल्ल्या वेळसाव पंचायतीत तो सादर करुंक ना (दिसाळ्यातल्या जायराती प्रमाण).	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
ii.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या प्रक्रिये प्रमाण भोवशीक नोटीस सदोश आसा, कारण फक्त थळावे लोक फक्त थळाव्या भाशेतल्या कार्यकारी सारांशातल्यान प्रकल्पाचे परिणाम समजुन तांचेर टिपण्णी करतले अशी कोण अपेक्षा करुंक शकना.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.

43. फा. सावीयो फेर्नांडीस, सामाजिक न्याय आनी शांती खातीर मंडळ, पणजी, गोंय.		
i.	तयार केल्ले ईआयए अहवाल स्पश्टपणान दाखयतात की हे सगले प्रकल्प MPT तली पयल्या पांवड्यातली कोळसो हाताळणी सद्याच्या 7.5 दशलक्ष ते 25 MT करपा खातीर आसा. बेतुल हांगा कोळसो बंदर करपाचे ताकतीकेचे विचार आसात आनी 6 न्हंयाचे राश्ट्रीयकरण हेवूय गोंयात कोळसो हाडपा खातीर आसा आनी वास्को -बेळगाव रेल्वे रुळाचे दुपदीकरण हेवुय फक्त कोळसो हाताळणी खातीर आसा कारण आमच्या गावांतल्यान जायते म्हामार्ग विस्तार प्रकल्प बांधतात. हे सगले शांतपणान आनी भागांनी करतात, आनी गोंयच्या नागरीकांक काळखात दवरतात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	MPT त जावपी कोळसो हाताळणीक लागुन वास्को आनी लागसारच्या वाठारात भरपुर वायु प्रदुशण आनी भलायकेच्यो समस्या जातात. GSPCB न धाडिल्ल्या असंख्य नोटीशीं उपरांतय प्रदुशण उणे जांवक ना. कोळसो हाताळणीतली प्रस्तावीत वाड वास्को, मुरगाव, दाबोळी, चिखली, सांकवाळे, झुवारी न्हंयेचो उत्तरे कडलो कीनारो गोवा वेल्हा ते दोना पावला मेरेन आनी कोळसो येरादारी खातीर वापरपाच्या रेल्व रुळ आनी म्हामार्गाच्या बाजुचे गांव हया वाठारातले वायु प्रदुशण व्हडा प्रमाणात वाडतले. न्हंयच्या तळाचे ड्रेजींग केल्ल्यान गोंयच्या नाजुक नुस्तेमारीवेलो परिणाम आपत्ती कारक आसतलो, बेन्थीक पर्यावरणाचो -हास जातलो जाचेर सागरी जीवन तिगुन आसा. GCZMA च्या तज्ञ वांगड्यांनी हया संबंधान गंभीर हुस्को उक्तायला. खारीवाडो, बायणा, देस्तेरो, झुवारी न्हयचे मुख आनी बेतुलातल्या नुस्तेकार समुदाया कडल्यान सुरवात जावन गोंयातले नुस्तेकार पुरायपणान विस्थापीत जातले, जांका कोळसो हाताळणीक वाट करून दिवपाक सक्ती केल्या. कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन गोंयातले समुद्र, न्हंयो, वायु आनी भूंयेचे प्रदुशण जातले जाका लागुन व्हडा प्रमाणात दुयेसा आनी मरण येतले. आमचे राष्ट्रीय अर्थकारण, पर्यटन आनी हेर अर्थवेवस्थेक मार बसतलो आनी गोंयात अर्थीक आनी सामाजीक पडझड जातली. फावर केल्ल्यो कॉर्पोरेट कंपनी व्हड फायदो करतल्यो, जाल्यार गोंय आनी गोंयकाराक ताचे मोल फारीक करचे पडतले.	भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. NAAQS, 2009 चेर उत्सर्जनाचे संकेंद्रकरणाचो भलायकेचेर परिणाम जाता अशे म्हणप हे चूक. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
iii.	प्रदुशणाची समस्या फक्त मुरगाव तालुक्या पुरती मर्यादीत ना मात ज्या सरभोवतणच्या तालुक्यातल्यान कोळश्याची येरादारी जाता आनी हेर घटक आसात तांचोय आस्पाव जाता.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
44. दिनेश डायस, साल्वादोर- द -मुंद, गोंय.		
i.	फॉर्म I: फॉर्म I हे सावथ वेस्ट पोर्ट ली. न MOEFCC खातीर फेब्रुवारी 2015 त तयार केल्लो अर्ज, जांतुत आसा ती म्हायती पुरायपणान चूकीची आनी दिशाभुल करपी आसा. हया दस्ताऐवजा प्रमाण पान 12 आनी 13 चेर, प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या शीमेकडल्यान 15 किमी अंतरामेरेन: a. संरक्षण स्थापना ना (Sr. no. 7)	2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची

	b. दाट लोकसंख्या वा बांधकाम केल्ले क्षेत्र ना (Sr. no. 8) c. हॉस्पीटल, शाळा वा प्रार्थना घरां ना (sr. no. 9). d. महत्वाचे वा दुर्मीळ नुस्तेमारी, पर्यटन स्रोतां आशिल्ले वाठार ना (Sr. no. 10). हांतुत उल्लेख ना. i) ग्रेन्ड जुव्यावेली प्रवाळी ii) धोक्यातल्या वींडो पॅन ऑयस्टराची (menddio)चिखली खाडी, नावसी खाडी सांकवाळी खाडी. e. हे आदीच प्रदुशण वा पर्यावरणीय हानी जाल्ले वाठार. हांतुत वास्को शार वा झुवारी न्हंय हांचो उल्लेख ना जे एमपीटीच्या कोळसो हाताळणी वावराक लागुन भरपुर प्रमाणात प्रदुशीत जाल्यात. फॉर्म I त दिल्ली म्हायती चूकिची आशिल्ल्यान, प्रकल्प रद्द करुंक जाय आनी मान्यताय दिंवपाक जायना.	तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले.
ii.	ईआयए अहवालाचो मसुदो: a. फाटल्या कीतल्याश्याच वर्सात धक्को 5A, 6A आनी 7 (अदानी) आनी 10 आनी 11 (MPT) चेर कोळसो हाताळणीक लागुन प्रदुशण जाल्ल्यान आनी न्यायालयाच्या आदेशाक लागुन बंदर आनी वास्को शारातल्या सरभोवतणच्या वायु दर्जाचेर वर्सभर नदर दवरतात. नोंदी क्षेत्र हे तयार उपलब्ध आसात. मात ईआयए अहवालात सरभोवतणचो वायु दर्जो 4 मार्च 2016 ते 28 मार्च 2016 हया काळातलोच उल्लेख आसा. (i) मान्सुन उपरांतचो काळ मध्य ऑक्टोबर ते नोव्हेंबर, आनी (ii) शींयाळी मोसम डिसेंबर ते फेब्रुवारी हाची म्हायती दिल्ली ना. सगल्या तीनुय मोसमाची म्हायती दिवपी नवो ईआयए अहवाल तयार करुंक जांय.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
	b. MPT वेल्या कोळसो हाताळणीक लागुन वास्को शार आनी थंयच्या निवासी लोकांची भलायकी आनी पर्यावरणाचेर विध्वंसक परिणाम जाल्यात. ईआयए अहवालात मुद्दाम फक्त 5 सरभोवतणच्या हवा दर्जो देखरेख स्थानकांवेल्यो नोंदी मतीत घेतल्यात. प्रदुशणाचे पांवडे मान्यताय प्राप्त मर्यादेत आसात कांय कीते हाची खात्री करच्या खातीर बंदर आनी शारां भोवतणी स्थापन केल्ल्या सरभोवतणच्या हवा देखरेख स्थानका वेल्यो नोंदी मतीत घेंवक जाय आशिल्ल्यो.	प्रकल्प आनी हेर वावरातल्यान परिणाम शीमेत जावपी वायु प्रदुशकाच्या केंद्रीकरणाचे पडबींब दाखोवपाक विवेकशीलतायेन दवरिल्ल्या देखरेख सुवातांचेर एका मोसमातली मुलभूत सरभोवतणची तपशीलवार वायु देखरेख केल्या. वायु देखरेख आनी परिणामांचे विवेचन प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्ज्यात केलां.
	c. गोंयच्या उदकांत नोंद जाल्ल्यो नुस्त्यांच्यो प्रजाती. चिखली खाडी, सांकवाळे खाडी, नावसी खाडी प्रकल्प सुवातेच्या 10 किमी अंतरा भीतर आसात. धोक्यातले वींडो पॅन ऑयस्टर्स (Menndeo) ही रानां जीव राखण कायद्याच्या अनुसूची IV तली संरक्षीत प्रजाती हया वाठारात सापडल्या. मात ईआयए अहवालाच्या कोश्टक 3.38 त धोक्यातल्या ऑयस्टराचो मुद्दाम उल्लेक करुंक ना.	सागरी जीवांची वळेरी जांतुत नुस्त्याचो आस्पाव आसा, ती भारत सरकाराच्या नुस्तेमारी खात्या कडल्यान घेतल्या आनी प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.19, पान क्र. 3-72 उपरांत आस्पावीत केल्या. प्रजातींची मुलभूत दस्ताऐवज म्हण वळेरी केल्या. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो

	बंदराच्या वावराच्या विस्ताराक वरवी कोळसो प्रदुशणाक लागुन ह्या संवेदनशील वाठारावेलो परिणाम मतीत घेतलो ना. हजारांनी कुटुंबा ह्या ऑयस्टराचे पीक घेतात आनी तांची उपजिवीका धोक्यात आयल्या. त्याचप्रमाण, ग्रेन्ड जुव्या कडल्या (प्रस्तावीत सुवाती कडल्यान 7 किमी, पान 3-6 पळयात) दुर्मीळ आनी मोलादीक प्रवाळींचो उल्लेख ना. प्रदूशणाक लागुन जांचो उणाव कसोय भरुन येवपाक शकना ती प्रवाळीं कायमची नश्ट जातली.	पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. क्षमताय वाड प्रकल्पाच्या अंमलबजावणेक लागुन सागरी पर्यावरणाचेर उल्लेखनीय परीणाम जावपाची शक्यताय ना. ग्रेन्ड जुव्याचेर हालीच प्रवाळीं सापडल्यात हे सत हे ईआयए अहवालात, प्रकरण 3, पर्यावरणीय मुलभूत दर्जो, विभाग 3.17.10, पान कर. 3-61 त योग्य रीतीन नमुद केलां. कसलोय तरेचो उल्लेखनीय विपरीत परिणाम जावपाक, ग्रेन्ड जुवो प्रस्तावीत प्रकल्पा कडल्यान समुद्री अंतरान सुमार 10 किमी पयस आसा.
	d. नुस्तेकारांची लोकसंख्या. कोश्टक 3.41 त चिकोळणा, सांकवाळे आदी हे नुस्तेकारांच्या गावां कडेन आडनदर करुन मुरगाव तालुक्यातल्या नुस्तेकार लोकसंख्येक पुरायपणान उणे लेखल्यात, तिसवाडी तालुक्यातले कुडका, काकरा, नावशी, सीरीदाव, गोवा वेल्हा, बांबोळी आदी गांवातल्या लोकसंख्येचो उल्लेख ना.	प्रकल्पाच्या 10 किमी परिघातलो नुस्तेमारी कडेन संबंधीत डेटा, पर्यावरणीय मुलभूत दस्ताऐवज म्हण गोंय सरकाराच्या नुस्तेमारी संचालक, नुस्तेमारी अहवालातल्यान घेतला.
	e. शमन उपाय: अहवालात (पान 4-11) अशे म्हळा की सुको गाळ जाका इंधनाचे मोल आसा, तो गांवातल्या लोकांमदी वितरीत करुंक जाता. आयज मेरेन अशे तरेचो गाळ खंयच्याय गावका-यांक वितरीत केल्ल्याचो अहवाल ना. हाका लागुन आमी असो अनुमान कडुंक शकतात की लगदो समुद्र/न्हंयेत व्हरुन उडयतात.	कोळश्याचो गाळ खळाव्या गावक-यांक वितरीक करप हे सुचोवणेते वक्तव्य आशिल्ले, हे खंयच्या वैधानीक सक्ती खाला अनिवार्य ना. गाळ, जांतुत उदकांत गेल्लो बारीक कोळसो म्हाला वांगडा एकठाय करतात आनी तो रिकामो करतात. आमी हीच पद्धत फुडाराकय चालू दवरुंक शकतात.
	f. कोयराचे उदक तयार जावप ईआयए अहवाल (पान 4-13) म्हणता की कोळश्याच्या साठ्यातल्यान व्हावपी उदक खुप आम्लधर्मी आनी निलंबीत आनी विरघळील्ल्या घन आनी अवजड धातुंनी उच्च आसुंक शकता आनी भूजल आनी पृश्ठभागावेले उदक दुशीत करुंक शकता. सद्या मान्सुनात खुपशे व्हावपी उदक पर्यावरणाचे मोल दिवन समुद्रात व्हावपाक सोडला जाची ईआयए अहवालात नोंद ना.	अहवालात केल्ले वक्तव्य हे म्हालातल्यान व्हावपी उदकाचे सामान्य वैशिश्ट्य आसा. मात, ह्या प्रकरणात गरज म्हण धुल्लाच्या दमना खातीर आनी उजो पालोवपाक कोळश्याच्या म्हालाचेर नियंत्रीत पद्धतीन उदकाची फवारणी करतात. हे उदक म्हालात पुरायपणान शोशुन वता. उदकाची फवारणी /फॉगींग आनी अग्नीशमन वावराक लागुन व्हांवपी उदक तयार जायना. पावसाचे दिस तशेच हेर मोसमातय म्हाल धांपुन दवरतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन व्हांवते उदक तयार जाता जे साठो (स्थायीक) तळ्यात एकठाय करतात, जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.
	g. MPT त धक्को 5A आनी 6A च्या सरभोवतणच्या वाठारात कोळसो/लाकडाच्या कुडक्याक लागुन जावपी उचेंल्या पांवड्यावेल्या प्रदुशणाचो ईआयए अहवालात उल्लेख ना. 5A आनी 6A धक्क्याची क्षमताय वाड वास्को शारांतल्या नागरीकां खातीर सांगुंक नाशील्ले दुख जातले आनी पर्यावरण, नुस्ते स्रोत, आनी खासा करुन झुवारी न्हंयेतल्या नुस्तेका-यांच्या उपजिवीकेक सुधारणा ना जावपा सारखे लुकसाण जातले. MoEFCC न प्रकल्पाक मान्यताय	ईआयए अहवालात, SWPL आवारात करपी वावर आनी तांची प्रदुशण क्षमताय आनी तपशीलवार विद्यमान /प्रस्तावीत शमन उपाय हाचे तांच्या अधिकारणी वांगडा वर्णन केला. हेर धक्क्यांर हेर म्हाल हाताळप हो MPT आनी धक्को/टर्मीनल भाडेकरुंचो अधिकार, जे अधिकृतपणान सांगुंक शकनात.

	दिवची न्हय अशी आमी मागणी करतात.	
45. एडवीन पींटो, साश्ट, गोंय.		
i.	ईआयए अधिसूचोवणी 2006 त पर्यावरणीय मान्यताय मेळोवप गरजेचे आशिल्ल्या वावरांच्या अनुसूचींच्या घटक 7(e) प्रमाण तीन प्रकल्प एक म्हण मानपाक जाय, मात वेगळे प्रकल्प म्हण दाखयल्यात जे मान्य ना.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
ii.	ईआयए चो थळावो मसुदो 10 किमी परिघात येवपी चिखली पंचायत वा सांताक्रुज पंचायतीत उपलब्ध ना आनी प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या संकेतस्थळारुय तो उपलब्ध ना	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
iii.	धक्को 5A आनी 6A च्या वाडी खातीर ईआयए अहवालाचो कोंकणी वा अणकार उपलब्ध करुन दिवपाक GSPCB अपेस आयला जे हेर दोन प्रकल्पां खातीर ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या कलम 2.2 प्रमाण केल्ले.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
iv.	कोळसो विस्ताराचो वास्को आनी सरभोवतणच्या वाठाराचेर जावपी परिणामाचो केल्लो अभ्यास अहवाल GSPCB न लोकांक उपलब्ध करुंन दिवुंक जाय.	प्रस्न आमका विचारुंक ना.
46. अभिजीत डी. साळकर, वास्को, गोंय.		
i.	ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 8 (8.4.2) चो संदर्भ दीता. पोटवाक्य म्हणता की देखरेखी खातीर फक्त तीन AAQM स्थानकांचो प्रस्ताव आसा. फक्त तीन स्थानकां पुरायपणान उणी पडतली आनी दिल्ल्या विहीत नेमांप्रमाण (WHO, 1977) थंय उणीच 12 स्थानका आसपाक जाय.	प्रकल्पाच्या अंमलबजावणीच्या पांवड्यार प्रदूशकांचे संकेंद्रण थारावच्या खातीर तीन AAQM स्थानकां स्थापन केल्यात. क्षमताय वाड प्रकल्पांत मुखेल अशे नागरी काम आसचे ना, फक्त मॅकेनीकल रेट्रेफीटींग आनी ल्हान अनुकुल संरचनात्मक काम करतले. AAQ देखरेख आनी ताचो अहवाल दिवपा खातीर आमी GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितात. तशेच पाळतले वा GSPCB दिता त्या निर्देशांक पाळो दितले.
ii.	नमुनो घेवपाचो काळ आनी वारंवारता अशी आसपाक जाय की डेटातल्यान सांख्यीकी नदरेन विश्वसनीय सरासरी मेळोवपाक शक्य जातले. देखरेख 24 वरां आनी वर्सातले उणेच 104 दिस करुंक जाय.	AAQ देखरेख आनी ताचो अहवाल दिवपा खातीर आमी GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितात. तशेच पाळतले वा GSPCB दिता त्या निर्देशांक पाळो दितले.
iii.	रु. 12 LPA पुरायपणान अपुरो आसा. चलनवाडीक लागुन वर्सा वर्सा प्रमाण वाडी खातीर तजवीज केल्ली ना.	ईआयए अहवालात नमुद केला तो AAQ देखरेखीचो खर्च हो अंदाज आसा. गरजे प्रमाण देखरेखी खातीर अतीरीक्त तजवीज करतले.
iv.	अहवालात बांधकाम सुवातेच्या लागी 3 देखरेख स्थानकां प्रस्तावीत करता. कार्यरत पांवड्यार ती बांधकाम सुवाते लागसार कित्याक आसपाक जाय. वावराक लागुन भार बसपाक शकता त्या सगल्या वाठारात ती फाफसल्ली आसुंक नाका व्हंय.	क्षमताय वाड प्रकल्पांत मुखेल अशे नागरी काम आसचे ना, फक्त मॅकेनीकल रेट्रेफीटींग आनी ल्हान अनुकुल संरचनात्मक काम करतले.

		AAQ देखरेख आनी ताचो अहवाल दिवपा खातीर आमी GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितात. तशेच पाळतले वा GSPCB दिता त्या निर्देशांक पाळो दितले.
v.	नमुनो स्थानकांची देखरेख करपाक यंत्रणांची नेमणुक NGO कडेन दिवची.	AAQ देखरेख आनी ताचो अहवाल दिवपा खातीर आमी GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितात. तशेच पाळतले वा GSPCB दिता त्या निर्देशांक पाळो दितले.
vi.	सरभोवतणच्या हवा दर्जो देखरेखीच्या, CPCB, MoEF, एप्रील 2003 च्या मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण सक्तीच्या नेमांचो उल्लेक ना	AAQ देखरेख NAAQS, 2009 प्रमाण केल्या.
47. वाय. सी. एच. सींग, 12 हेर वांगड्यां सयत		
i.	आमी सगले सावथ वेस्ट पोर्ट ली. सुरक्षे खाला काम करतात. हे आमच्या येणावळीचे मुखेल स्रोत आसा आनी आमच्या सगल्यांची कुटुंबा हे कंपनीचेर निंबुन आसात. म्हणुन ही कंपनी आमका चलपाक जाय.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
48. एम/एस. एस. एस. कंत्राटदार, 18 हेर वांगड्यां सयत		
i.	SWPL बंदराचे प्रदुशण करीना आनी फाटल्या पांच वर्सा परस अदीक काळा सावन काम करता. आमी सगले आनी आमची कुटुंबा आनी भुरगी हया बंदर सेवेचेर निंबुन आसात. म्हणुन आमका ही कंपनी चलपाची गरज आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
49. प्रदीप आचरेकर, 5 हेर वांगड्या सयत		
i.	ही SWPL कंपनी सुमार दसका परस अदीक काळासावन काम करता आनी समाजाच्या अर्थीक, सांस्कृतीक आनी शिक्षणीक कामां खातीर मजत करता. आमी हया प्रकल्पाच्या फावरान आसात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
50. रवींद्र सींग, 57 हेर वांगड्या सयत		
i.	SWPL सडा गावांतल्या बायलांचे सशक्तीकरण करुंक सक्रीयपणान काम करता. शीवपाची मशीनां, प्रशिक्षण, फॅशन डिजायनींग उपलब्ध केलां, कुटुंबाक मुळावी उपजिवीका उपलब्ध करुन दिता. आनी फुडाराकय तेंको दिता. आमी वाड प्रकल्पाच्या फावरान आसात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
51. रोमी कुमार गुप्ता, 48 हेर वांगड्या सयत		
i.	SWPL न शाळांतल्या विद्यार्थ्यांक शिक्षणीक समान जशे की पुस्तकां, बांक, कंप्युटर्स, शाळेची इमारत आदी उपलब्ध करुन दिला. फुडारातय अश्या वावराक ते मदत करतले.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.

52. श्री प्रदिप सरोज, 10 हेर वांगड्या सयत		
i.	धक्को 5A आनी 6A च्या प्रस्तावीत विस्तार प्रकल्पातल्यान कितली रोजगार निर्मीती जातली. थळ्याव्या लोकांक प्राधान्य दिवपाची आमी मागणी करतात. कंपनी मान्य करता जाल्यार आमका कसलोच आक्षेप ना.	SWPL टर्मीनलांत सद्या काम करतात त्या वट्ट 400 कामगारांतले 60% कामगार गोंयकार आसात. प्रकल्प गटांत पडता तांतुत **प्रस्तावीत क्षमताय** वाडीची अंमलबजावणी केल्या उपरांत रोजगारांत उल्लेखनीय वाड जावची ना.
53. श्रीकांत 54 हेर वांगड्या सयत		
i.	SWPL फाटली 12 वर्सा काम करता आनी म्हाल हाताळता आनी उदरगतीच्या कार्यावळी खातीर काम करता. • कंपनीन अंगणवाडी बांधल्यात, म्हणुन आमी प्रकल्पांच्या फावरान आसात. • शाळांत तांणी शिक्षणीक सामान आनी भुरग्यांक पुस्तकां दिल्यात, म्हणुन आमी हया प्रकल्पांच्या फावरान आसात. • आमका रोजगार मेळला आनी म्हणुन आमची अर्थीक स्थीती सुधारल्या. म्हणुन आमी हया प्रकल्पांच्या उदरगतीच्या फावरान आसात. • शारांत हॉटेलां, कामगारां खातीर भाड्याची घरां, भाड्याच्यो सुवातो अशे तरेचो धाकलो अर्थीक तेंको कंपनीच्या वावराक लागुन तयार जाता. म्हणुन आमी विस्तार प्रकल्पाक तेंको दितात. • कर्मचारी आनी कंपनी आमची वाहनां भाड्यान घेता, म्हणुन बरे पैशे मेळतात. म्हणुन आमी हया प्रकल्पाच्या पुनर्वावराक तेंको दितात. • शाळां आनी शारांनी कंपनीन नितळसाण कार्यावळी खातीर फुडाकार घेतला. कोयराचे डबे उपलब्ध करुन दिल्यात, शौचालयां बांधल्यात. म्हणुन शाराची नितळसाण आनी सौंदर्य वाडला. • कंपनी कामगारांक वयक्तीक संरक्षण उपकरणां उपलब्ध करुन दिता, कामगारांच्या भलायकेची तपासणी करता, प्रदुशणाचेर नियंत्रण हाडता. म्हणुन प्रकल्पाच्या फावरान आसात. • आमी हे कंपनीक तेंको दितात कारण नव्यो भरती तयार जातल्यो. • आमची मागणी आसा की कंपनीन थळाव्यांक रोजगारा खातीर प्रधान्य दिवचे मागीर आमी प्रकल्पाक तेंको दितले.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
54. पवन कुमार, वास्को		
i.	SWPL फाटल्या 12 वर्सा परस अदीक काळा सावन काम करता, जाका लागुन उदरगत आनी रोजगार तयार जाता. आमी हे कंपनी वांगडा खुश आसात, आमका कसलीच हानी ना, हाका लागुन आमका खुप संदी मेळ्ळ्यो.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
55. मदन हळर्णकर, वास्को		

i.	हांव ह्या SWPL प्रकल्पाक तेंको दिता कारण ही कंपनी खुप बरी आसा, फाटली 10 वर्सा वयर काम करता, कंपनी बरी सुवीधा दिता, पगार वेळार दिता.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
56. अरुण कुमार, 5 हेर वांगड्या सयत		
i.	ह्या प्रकल्पाक तेंको दिता. ही कंपनी फाटल्या 5 वर्सा सावन बरे काम करता, सगले अधिकारी बरे आसात, काम सुरक्षीत आसा, सुरक्षेचेर प्रशीक्षण दितात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
57. राजकुमार साव, वास्को		
i.	SWPL क लागुन उदरगत आनी रोजगार तयार जाता. आमी हे कंपंनी वांगडा खुप खोशी आसात, आमका कसलीच हानी जांवक ना, हाका लागुन आमका खुप संदी मेळ्ळ्यो.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
58. अव्वन्ना चेदानी, वास्को		
i.	SWPL फाटल्या 15 वर्सा परस अदीक काळासावन कार्यरत आसा, हाका लागुन उदरगत आनी रोजगार तयार जाता. हे कंपनी वांगडा आमी खोशी आसात, आमका कांयच हानी ना, हाका लागुन आमका खुप संदी मेळ्ळ्यो.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
59. जफरुल्लाह शिकालर, वास्को		
i.	हे उदरगतीक आक्षेप ना. SWPL हे MPT तले उत्तम बंदर. गौंयाक महसूल उपलब्ध करुन दिता. CSR खाला कंपनी समाजाक स्वच्छ भारत अभीयानाखाला जायत्यो ब-यो गोश्टी दीता. हे कंपंनीचेर खुपशी कुटुंबा नींबुन आसात म्हणुन हाव कंपंनी वांगडा खोशी आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
60. संजय गोवींद घवारे, वास्को **61. संजय महाले, वास्को**		
i.	SWPL फाटल्या 12 वर्सा परस अदीक काळासावन कार्यरत आसा, SWPL क लागुन उदरगत, रोजगार तयार जातात. कंपंनीन अंगणवाडीची उदरगत केल्या, शाळांखातीर उपकरणां, पुस्तकां भेटयल्यात. हे कंपंनी वांगडा आमी खुप खोशी आसात. आमचो हे कंपंनीक विरोध ना.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
62. दिपांकर पावल, वास्को		

i.	श्री दिपांकर पावल हावे पळयला की SWPl फाटल्या 12 वर्सा सावन काम करता आनी गोंय राज्याची उदरगत आनी प्रगती खातीर वावुरता. सकयल दिल्ल्या कारणांक लागुन म्हाका ह्या प्रकल्पाचेर आक्षेप ना. a) ते बंदराच्या उदरगती खातीर वावुरतात आनी MPT आनी गोंया खातीर महसूलाची निर्मीती करतात. b) वास्को आनी भोवतणच्या वाठारात ते रोजगाक तयार करतात. c) जायते ल्हान सहाय्यक वेवसाय जशे की हॉटेलां SWPL चेर नींबुन आसात. गाडी, बसीच्यो भाड्याच्यो सेवा SWPL चे नींबुन आसात. d) SWPL न CSR त बरो वावर केला. बायणा, बोयदातल्या शौचालयांचे नविनीकरण केलां. e) CSR खाला तांणी सगल्या शाळांक कोयराचे डबे दिल्यात. f) CSR खाला तांणी वास्को शारात उद्यान, हरीत दुभाजक आदींची उदरगत केल्या. g) CSR खाला तांणी खासा गरजेच्या विद्यार्थ्यां खातीर शाळांक खेळपाची उपकरणां दिल्यात. h) CSR खाला तांणी 114 अंगणवाडींक उदक फिल्टर उपकरणां दिल्यात. i) स्वच्छ भारत अभियाना खाला कंपंनी शार वेवस्थीत आनी नितळ दवरता. j) तांचो म्हाल धापिल्ल्या स्थीतीत आनी रेल्वेत वता म्हणुन हावे कसलेच प्रदुशण जाता ते पळयील्ले ना.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
63. संदिप महाले, वास्को		
i.	SWPL फाटल्या 12 वर्सा परस अदीक काळा सावन कार्यरत आसा, हाका लागुन उदरगत आनी रोजगार तयार जाता. हे कंपनी वांगडा आमी खोशी आसात, आमका कांयच हानी ना, हाका लागुन आमका खुप संदी मेळ्ळ्यो.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
64. झीनत खान, सडा		
i.	म्हजो घरकार फाटल्या 9 वर्सा सावन SWPL त काम करता. हाका लागुन आमची उपजिवीका चलता. आमका ही कंपंनी वाडिल्ली जांय.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
65. मोहमद हुंचल, बोगदा		
i.	1 वर्सा सावन SWPL त काम करता. हाव मुळ कर्नाटकांतलो, हाव हांगा कामाखातीर आयिल्लो. हे कंपंनीचेर खुपशी कुटुंबा निंबुन आसात. हाव आनी हे कंपंनीत काम करता तांका सगल्यांक हे कंपंनीची गरज आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
66. शेदा कुमारी, सडा		

i.	म्हजो घरकार SWPL त फाटल्या पाच वर्सा सावन काम करता, जाका लागुन म्हजी भुरगी ब-या शाळेत शिकतात. खुपश्या लोकांची जीण हाका जोडिल्ली आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
67. श्रीकांत शींदे, सडा		
i.	हांव हया SWPL कंपनीत फाटल्या तीन वर्सा सावन काम करता. सावथ वेस्ट पोर्टात पर्यावरणाची राखण करपाक झुंजा पांवड्यार पांवला उबारतात. सगल्या कामगारांची सुरक्षा मतीत घेतल्या. सगल्या कामगारां खातीर हे बंदर गरजेचे आसा. हया बंदराक लागुन खुपश्या कुटुंबाची उपजिवीका चलता.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
68. बाबलो प्रसाद, वास्को		
i.	हाव आनी म्हज्या कुटुंबातले वांगडी हया बंदराचेर नींबुन आसात. आमी आमचे कुटुंब चलोवच्या खातीर युपी तल्यान हांगा आयल्यात. जर हे बंदर काम करना जाले जाल्यार भारताची वाड आनी उदरगत कशी जातली.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
69. शीवदयाळ, वास्को		
i.	हांव, म्हज्या पुराय कुटुंबातले वांगडी, भुरगी, भाव, आवय, बापुय हया बंदराच्या रोजगाराचेर जगतात. आमी जगपा खातीर युपीतल्यान आयिल्ले. हांव हे कंपनीचे उपकार मानता. म्हाका म्हज्या देशाची उदरगत करपाक जाय.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
70. कल्याणी मोहकर, बायणा		
i.	सावथ वेस्ट बंदराच्या उदरगतीक लागुन हया वाठारातलो सहाय्यक वेवसाय वाडतलो. गाडयो, चालक आनी ल्हान वेवसाय जशे की हॉटेलां, भाड्याची घरां हांची मागणी वाडतली. हाका लागुन गावक-यांची अर्थीक स्थीती वाडतली. वाठाराच्या उदरगती खातीर आमी हया प्रकल्पाक तेंको दीतात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
71. जी. आर. चोडणकार, वास्को		
i.	फाटल्या 12 वर्सा सावन SWPL काम करता आनी गोंय राज्याची उदरगत आनी प्रगती खातीर काम करता ते हावे पळयला. सकयल्या कारणांक लागुन म्हजो हया प्रकल्पाक विरोध ना. a) ते बंदराच्या उदरगती खातीर काम करतात आनी MPT आनी गोंया खातीर महसुल तयार करतात. b) वास्को आनी लागसारच्या वाठारात ते रोजगार निर्मीती करतात.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.

	c) जायते ल्हान सहाय्यक जशे की हॉटेलां SWPL चेर निंबुन आसात, गाडी, बस भाड्याची सेवा SWPL चेर निंबुन आसा. d) SWPL CSR वाठारात बरो वावर करता. बायणा, बोगदा वाठारांतल्या शौचालयांचे नवीनीकरण केलां. e) CSR खाला तांणी सगल्या शाळांक कोयराचे डबे दिल्यात. f) CSR खाला तांणी वास्को शारात उद्यान, हरीत दुभाजक आदींची उदरगत केल्या. g) CSR खाला तांणी खासा गरजेच्या विद्यार्थ्यां खातीर शाळांक खेळपाची उपकरणां दिल्यात h) CSR खाला तांणी 114 अंगणवाडींक उदक फिल्टर उपकरणां दिल्यात i) स्वच्छ भारत अभियाना खाला कंपंनी शार वेवस्थीत आनी नितळ दवरता. तांचो म्हाल धापिल्ल्या स्थीतीत आनी रेल्वेत वता म्हणुन हावे कसलेच प्रदुशण जाता ते पळयील्ले ना.	
72. सुदेश गुंजीकर वास्को		
i.	फाटल्या 12 वर्सा सावन SWPL काम करता आना गोंय राज्याची उदरगत आनी प्रगती खातीर काम करता ते हावे पळयला. वास्को आनी लागसरच्या वाठारात केल्ल्या जायत्या CSR वावराचो हाव भाग आशिल्लो. ह्या दरगतीच्या वावराक म्हजो आक्षेप ना आनी हांव हे संघटने वांगडा खोशी आसा.	मतां मान्य आसात आनी तांची तोखणाय करतात.
73. वसंत नायक, पंचायत चिकोळणा, बोगमाळो		
i.	आमचे पंचायतीक ह्या भोवशीक सुनावणेची कयलीच म्हायती मेळुंक ना आनी ईआयए अहवालाचो मसुदोय मेळुंक ना. ईआयए अहवालाची प्रत आमका उपलब्ध करुन दिवची अशी विनंती आमी करतात, त्या उपरांत योग्य तारखे वांगडा आमी आमचे म्हण्णे, विचार, आक्षेप, सुचोवण्यो आसल्यार, MoEFCC न थारायिल्ल्या भोवशीक सुनावणेच्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण दितले.	ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्यो प्रती GSPCB न ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 त दिल्ल्या सुवातांचेर उपलब्ध करुन दिल्ल्यो आनी प्रकल्प वाठारात वितरीत केल्ल्यो. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त थारावन दिल्ली सगली आवश्यकता आमी पुराय केल्या.
74. टी. टी. श्रीधरन, वास्को, गोंय.		
i.	प्रस्तावकांनी फावो तीतले लक्ष दिंवक ना आनी वास्को शाराच्या वाठारात कोळसो प्रदुशण नियंत्रीत करपाक फावो तीतली पावलां उबारपाक घाळसाण केल्या.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
ii.	प्रदुशणाच्या पांवड्यार नदर दवरपाक प्रस्तावकांनी फावो ती पांवला उबारुक ना. भोवशीक विरोधा उपरांत GSPCB कारवाय केली आनी हाताळणी क्षमताय 5.5 MMT वेल्यान 4.5 MMT इतली केली.	GSPCB च्या निर्देशांक योग्य आनी बेगोबेग आवश्यक पाळो दिल्लो आनी योग्य प्रक्रीया पाळुन प्रस्न सोडयिल्लो.

iii.	कोळसो धुल्लाचे उदकाचे मीश्रण समुद्रात वचपा पासुन आडावपाक प्रस्तावक फावो तीतले आनी योग्य उपाय करीनात. हाका लागुन सागरी जिवीत आनी पर्यावरणाचे भरुन ना येवपी लुकसाण जाता.	पावसाचे दिस तशेच हेर मोसमातय म्हालाचो धापिल्ल्या स्थीतीत साठो करतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन व्हावपी उदक तयार जाता जे साठो (स्थायीक) तळ्यात एकठाय करतात, जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.
iv.	प्रस्तावकांनी तांचो प्रकल्प 5000 MT अमोनीया साठो टाकयेच्या सामको लागी स्थापीत केला, जाका लागुन मुरगाव तालुक्याक गंभीर धोको उप्रासला. म्हणुन वाडीव क्षमताय हाताळणी प्रस्तावीत ना.	क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण MSIHC नेम, 1989, (दुरुस्ती 2000) प्रमाण कसलोच धोकादायक म्हाल हाताळपाचो प्रस्ताव ना. सद्याच्या आनी प्रस्तावीत वावराक लागुन ऑफसायट घडणुको, (SWPL वाठाराच्या शीमेच्या भायर परिणाम जावपी) जावपीची शक्यताय ना.
v.	वयर दिल्ले सादरीकरणाक हानी करीनास्तना, जर संबंधीत अधिकारणी असो निश्कर्श काडता की प्रकल्प सद्याच्या क्षमतायेच्या पांवड्यार वा वाडीव पांवड्यार कोळसो हाताळणी चालु दवरुंक सोदता जाल्यार सकयल दिल्ले सुरक्षा उपाय प्रस्तावीत आसात.	
	a. मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठान 24.02.2012 दिसा दिल्लो निवाडो मुरगावांतल्या कोळसो हाताळणीक पुरायपणान लागु जाता आनी म्हळ्यारच कोळश्याचो वावर धापिल्ल्या परिस्थीतीत करुंक जाय.	मान्य आसा. टर्मीनलाचेर कोळश्याचो म्हाल सदाच धांपिल्लो आसता आनी फुडाराकय तशेच करतले.
	b. कार्यकारी सारांशाच्या शमन उपायां प्रमाण: वायु प्रदुशण, कोळसो 12 मी. उंचीचेर साठयतले, जाची दैवती 35 डिग्री आसतली. अशें सादर करतात की निर्देशा प्रमाण, GSPCB न कोळश्याच्या साठ्याची उंचाय 5 मी मेरेन मर्यादीत दवरल्या.	टर्मीनलांत कोळश्याच्या धुल्लाच्या उत्सर्जनाचे नियंत्रण करुंक SWPL न साठ्याची योग्य उंची आनी 12 मी उंचीच्या वींड शिल्डा वांगडा धापिल्ल्या साठ्याचेर भर दीला.
	c. उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण स्वतंत्र आनी नामनेच्या यंत्रणेच्या नियुक्त्यां खातीर प्रदुशणाच्या पांवड्याचेर, कोळसो साठ्याच्या उंचीचेर, हाताळणीच्या पद्धतीचेर, लोडींग आनी अनलोडींग वावराचेर नेमान नदर दवरप अस्तीत्वांत आसप आनी बंधनकारक आसा.	आमी ह्या संबंधान GSPCB च्या निर्देशांक पाळो दितले.
vi.	MPT च्या मानादीक अध्यक्षांनी म्हणील्ले की सुमार 100 क्रुज जहाजां मुगाव हार्बरात हाडपाचे ते यत्न करतात. इतले व्हडले पर्यटक, जहाजांचे कॅप्टन कोळसो प्रदुशणाचेर नाराज आसात. म्हणुन हाचो पर्यटन वेवसायाचेर परिणाम जातलो.	MPT केल्ल्या धक्को वाटपा प्रमाण क्रुज टर्मीनल आनी आमच्या वावराचे सहअस्तीत्व आसा.
vii.	प्रस्तावक आनी हेर कोळसो कंपन्यांनी कोळश्याच्या प्रदुशणाची बाधा जाल्ल्या लोकांक वैजकी मजत करपाक जाय.	आमी CSR वावर प्रमाणिकपणाच्या हेतून करतात. थळाव्या रहिवाशींच्या सगल्या साधनसुविधा आनी हेर गरजां खातीर सहकार्य करपाक आमच्या क्षमताये प्रमाण आमी उत्तम काम करतले.
75. वास्कोतले सगले नागरीक		
i.	20.03.2017 दीसा थारायील्ल्या भोवशीक सुनावणेची सुवात अदीक लोकांक आस्पावन घेवपाक बदलल्या.	NA
76. डॉम्नीक नोरोन्हा, साश्ट, गोंय		
i.	हो प्रस्ताव, प्रस्तावीत कोळसो टर्मीनलाक आक्षेप म्हण मानचो अशी विनंती. दांडवाडो शीर्ली, साश्ट गोंय, पंचायतीत संमत केल्लो थाराव.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिंवक ना.

ii.	गॉय ह्या सुंदर राज्याची वेगळी वळख ते नश्ट करतले. हाका लागुन लागसरच्या वाठारात हानीकारक वास आनी घटक जातले. रस्तो येरादारी, कार्गो ऑपरेशन्स, जहाजांची येरादारी, कोयर आदी हांका लागुन आवाज आनी कंपना निर्माण जातात.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिंवक ना.
77. सावीयो, कोरीया, मांगोर हील, वास्को.		
i.	ईआयए अर्धवट आनी अपुरो आसा. हांतुत मुरगाव बंदरावेल्या हेर कोळसो आनी लोह खनीज हाताळणी वावरा कडेन दुर्लक्ष केलां आनी पर्यावरण आनी पर्यावरण शास्त्राचेर जावपी एकठाय परिणाम मतीत घेवपाक अपेस आयला आनी दुर्लक्ष केलां.	ईआयए अहवालात SWPL च्या आवारात जावपी वावर आनी तांची प्रदूशण क्षमताय आनी सद्याचे /प्रस्तावीत शमन उपायांचे विस्तारान वर्णन केलां. हेर धक्क्यांचेर हेर म्हाल हाताळप हो MPT चो अधिकार. त्या भायर, प्रकल्प क्षेत्रात सरभोवतणच्या हवेच्या दर्ज्याची देखरेख जायत्या स्थानकांचेर जाता. ह्यो नोंदी बंदराच्या आवारातल्या वावराची एकठाय नोंद दिता आनी ईआयए अभ्यासा खातीर आधाररेखा तयार जाली जी AAQ मानकांच्या मान्यताय प्राप्त मर्यादेंत आसा. आधारभूत पर्यावरणीय देखरेख MPT वाठारातल्या हे सद्याच्या उद्देग/वावरांतल्यान जावपी प्रदूशणाचे योगदान मतीत घेता. मापदंडांच्या देखरेखीच्यो सुवातो अशे तरेन वेंचल्यात की वाठारातल्या वेगवेगळ्या स्रोतांतल्यान जावपी प्रदूशणाची मेंजणी जाता. वेगवेगळ्या पर्यावरणीय मापदंडांच्या नमुनो सुवातांचो तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यांत दिला.
ii.	PP न महत्वाचे पर्यावरणीय तथ्य चुकीचे पद्धतीन सांगला आनी दामुन दवरला. आनी EAC कडेन व्हडा प्रमाणात फटींगपणा केल्यात. a. परिशिश्ट I फॉर्म I वा ईआयए अहवालाच्या मसुद्यात धक्को 7 चेर दुसरो कोळसो हाताळणी टर्मीनल आसा ह्या वीशी कुजबुज लेगीत ना. b. परिशिश्ट I च्या फॉर्म 1 च्या पॅरा 9 त आनी फॉर्म I च्या पॅरा III अ. क्र 11 त महत्वाचे सत पुरायपणान दामुन दवरला आनी चुकीचे पद्धतीन सांगला. परिणामी सद्याच्या कोळसो हाताळणी वावराचो. PP न विस्तार केल्या उपरांत धक्को क्र. 7 आनी सद्याच्या/प्रस्तावीत वावराचो, पर्यावरण आनी पर्यावरण शास्त्राचेर एकत्रीत परिणाम ईआयए त मतीत घेतलो ना. c. त्या व्यतीरिक्त, लोह खनीज धक्को क्र. 9 सामान्य म्हाल धक्को 10 आनी 11 जंय लाकुड जिप्सम आनी हेर वावराचो एकत्रीत परिणाम फॉर्म I आनी ईआयए अहवालात दामुन दवरला. d. प्रस्तावीत प्रकल्पाचो पर्यावरणीय परिणाम मेजपाक स्पश्टपणान संरचनात्मक अपेस आयला. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या परिशिश्ट ऍ च्या फॉर्म I पॅरा 9 प्रमाण ते सक्तीचे आसा. e. विहीत अर्जाचो फॉर्म I त दिल्ल्या म्हायतीच्या आधाराचेर EAC न ToR निश्चीत केल्ले, म्हणुन दामुन दवरील्ले महत्वाचे सत आनी दिल्ली चुकीची म्हायती ह्या प्रकरणाच्या मुळामेरेन आसा. PP न हे खबर आसून, मुद्दाम आनी वायट हेतान केला आनी EAC कडेन फटींगपणा केल्यात. म्हणुन हाव अशे म्हणता की, वयर दिल्ली महत्वाची म्हायती दामुन दवरली आनी चुकीची म्हायती	a. उपकार करुन 84(i) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात. b. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. आधारभूत पर्यावरणीय देखरेख MPT वाठारातल्या हे सद्याच्या उद्देग/वावरांतल्यान जावपी प्रदूशणाचे योगदान मतीत घेता. मापदंडांच्या देखरेखीच्यो सुवातो अशे तरेन वेंचल्यात की वाठारातल्या वेगवेगळ्या स्रोतांतल्यान जावीप प्रदूशणाची मेंजणी जाता. वेगवेगळ्या पर्यावरणीय मापदंडांच्या नमुनो सुवातांचो तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यांत दिला. c. उपकार करुन 84(i) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात d. उपकार करुन 84(ii.b) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात e. आमी EC ची प्रक्रिया ईआयए अधिसूचोवणी, 2006 (दुरुस्त) प्रमाण केल्या, जांतुत सगली सादरीकरणां पारदर्शक पद्धतीन केल्यात. आरोप केला त्या प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात, EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणे कडल्यान खंयचेय सत वा म्हायती

	दिल्ल्याचे नदरे मुखार दवरुन, नवो विस्तार /ToR चो प्रस्ताव EAC न मतीत घेवचो आनी त्या परांत नवी भोवशीक सल्लोमसलतीची प्रक्रीया घेवची.	लिपोवपाचो यत्न करुंक ना.
iii.	ईआय़ए अहवालाचो मसुदो अपुरो आसा, कारण निश्चीत TOR मतीत घेवप हांतुत वगळला, म्हळ्यारच वारो आनी जीओ भार कार्यक्षम आशिल्ल्या, जीओडेसीक वा अणुवृत्त आकाराच्या घुमटी वांगडा धापिल्ल्या साठो शेडीच्या शक्यतायेवेलो अभ्यास सादर करुंक; a. ईआय़ए अहवालात धापिल्ल्या साठो शेडीच्या शक्यतायेचेर अभ्यास दिश्टी पडना ना आनी इआयए अहवालाचो मसुदो ह्या गंभीर TOR चेर मौन आसा. b. PP जयगड बंदराचेर 15 MMTPA कोळसो हाताळणी सुवीधा चलयता जंय 105 x450 मी धापिल्लो कोळसो साठो आसा. c. ज्या वाठारात भरपुर उश्णकटीबंधीय पावस पडता वा लोकसंख्येच्या केंद्रात कोळश्याचो उक्तो साठो समस्याकारक आसता, थंय साठो धापुंक जाता - देखीक साठो घुमटी वा सीलो. घुमटी वा कोठीच्या प्रकारचो बंद कोळसो साठो हो खुप आदर्श धुल्ल विरोधी उपाय. PP च्या प्रकल्पाचेर अशे तरेची सुवीधा, कोळश्याचे बारीक कण वा-याक लागुन उडपाचे आडायतले, मान्सून काळात उर्जा उत्पादन खर्च उणो करुन, मान्सून काळात कोळसो ओलो जावपा पासून आडावन, सुकोवपाचो व्हडा प्रमाणात खर्च वाटोवन, कोळसो साठ्याचेर फावारणी करपाचो उदकाचो वापर व्हडा प्रमाणात उणो करुन हे फायदेशीर थारतले. PP च्या मुरगाव बंदरावेल्या विस्तार प्रकल्पात अशे तरेचो धापिल्लो कोळसो साठो उपलब्ध ना करपा फाटले कारण किते आसा? हांव अशे म्हणता की PP क तांच्या ईआयए चो परतुन विचार करुन आनी वयर दिल्ले ToR (म्हळ्यारच, जीओडेसीक वा अणुवृत्त आकाराच्या घुमटेत धांपिल्लो कोळसो साठो) आस्पावीत करपाचो निर्देश दिवप योग्य थारतले आनी पुनर्मुल्यांकन परत भोवशीक सल्लोमसलती खातीर, त्या उपरांत छाननी खातीर दवरचे.	ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) त दिला त्या प्रक्रिये प्रमाण ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचेर आधारुन भोवशीक सुनावणी आसा. भोवशीक सल्लोमसलत प्रक्रियेत मेळिल्ल्या वक्तव्यांचेर आदारुन ईआयएक निमाणे रुप दितले आनी कसलोय उणाव आसल्यार, तो फावो ते तरेन पयस करतले. a. पुर्व-अभियांत्रीकी धापिल्ल्या संरचने खातीर अभियांत्रीकी व्यवहार्यता चालू आसा, ही क्रियाशील सुविधा आशिल्लयान, धांपिल्ल्या शेडीची कार्यवाही आनी उबारणी करपाक आव्हाना आसात. हे EAC, MoEFCC क ईआयए सादरीकरणा वेळार दितले आनी ताचे बांधकाम व्यवहार्यता आनी MOEFCC च्या मान्यताये प्रमाण करतले. खरे म्हळ्यार जयगड सुविधा आदर्श म्हण हेर बंदरांचेर पाळतात. आमी EAC, MoEFCC च्या निर्देशांक पाळो दितले. b. निरीक्षण ह्या प्रकल्पा कडेन सुसंगत ना. c. सुचोवणी आनी निरिक्षणां योग्य भावनेन घेतल्यात आनी धांपिल्ल्या शेडीच्या डिजायनाच्या अभ्यासात वापरतले. मात, सद्याच्या वावरात म्हाल धापिल्लो आसता अशे आमी परतुन सांगतात, क्षणीक उत्सर्जन तयार जावपाच्यो सगल्यो शक्यताय योग्य, उद्देगान मान्य केल्ले /नेम आनी प्रभावी पद्दतीनी (धापप, फवारणी, धापिल्ले वाहक, बंद हस्तातंरण टॉवर, अशे तरेचे.) सोडयल्यात. ह्या व्यतीरिक्त, सध्याच्या वावरात भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.
iv.	ईआयए अभ्यास अपुरो आसा, कारण रेल्वे डब्यांनी कोळश्याच्या येरादारी वेळार जावपी पर्यावरणीय परिणामां कडेन तो पुरायपणान आडनदर करता. a. ईआयए अहवालात अशे म्हळां की म्हालाची येरादारी पुरायपणान रेल्वे डब्यांनी जातली, मात कर्नाटकांतल्या विजयनगरातल्या JSW स्टील कारखान्या मेरेन रेल्वे मार्गान कोळशाची येरादारी करतना जातल्या पर्यावरणीय परिणामां कडेन अभ्यासात पुरायपणान दुर्लक्ष केलां. b. हांव वास्को रेल्वे स्थानकाच्या सुमार 700 मिटर SW वाठारात आनी SWR BG रेल्वे लायनीच्या 530 मिटर अंतराचेर रावता. हांव आनी म्हजे कुटुंब फाटल्या दसक भरांत कोळश्याची येरादारी करपी रेल्वे डब्यांतल्यान जावपी धुल्लाचे उत्सर्जन सोसतात. c. मुरगांव बंदर ते लॉढां मेरेनच्या BG रुळाचे दुपदरीकरण करपाचो प्रस्ताव आसा जाका लागुन हो	निरीक्षण समा ना. a. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआय़ए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न

	त्यार्ग "कोळसो कॉरीडॉरात" रुपांतरीक जातलो. d. मुरगांव बंदर ते तोरानगल्लु कर्नाटका मदले अंतर सुमार 415 किमी आसा आनी प्रस्तावीत वाडीक लागुन वास्को -ते वास्को फेरयेचो वेळ 6 वरां सयत दर दीसा 12 - 15 रॅकांची येरादारी जातली. कोळसो ट्रेनींच्या हालचालींक लागून, गाडयांच्या उक्त्या पृष्ठभागाक लागून, परजीवी कोळसो आनी वाहनांतल्यान फैलाव जाल्ल्यान कोळश्याचो धुल्ल रेल्वे कॉरीडोरात आनी त्या वाठारात फाफसतलो. e. कोळश्याचो धुल्ल आनी कण रेल्वे कॉरीडोरांतल्यान सरभोवतणच्या समुदायाचेर फाफसतलो त्या वीशी ईआयए अहवालात कसलोच डेटा ना. AAQ मानक आनी रेल्वे कॉरीडॉराची देखरेख करुन ताचे मुल्यांकन करुंक जाय. PP न हवा बोगदो अभ्यास, ताडपत्रीतल्यान धुल्ल फाफसोवपाचो आकडो, उंचाये कडेन संबंधीत वायुगती शास्त्र आनी भाराची मांडणी हांचेर अभ्यास करुंक ना. f. डीजलाच्या वापराक लागुन ट्रेनीं, कणांचे (PM 2.5) उत्सर्जन करतात, तशेच आवाजाचे प्रदुशण जाता. रेल्वे लायन अस्तंत घाटांतली संरक्षीत रानां आनी संरक्षीत वाठारातल्यान धांवता. कोळश्याचो धुल्ल लागसारच्या झाडांच्या पानांचेर बसतलो आनी तांच्या फोटोसींथेसीस क्षमतायेचेर परिणाम जातलो. g. वाड जाल्या उपरांत दर दीसा 12 - 15 रॅक्सांची कल्पना ईआयए अभ्यास मुसुद्यात केला, सद्याचे हेर आनी प्रस्तावीत MPT विन्मुख रेल्वे येरादारी मतीत घेवन रेल्वे येरादारीचेर एकठाय जावपी परिणामांचे विश्लेशण करुंक ना. h. पर्यावरणीय प्रदूशणा वांगडाच, रेल्वे रुळ हुंपपी रस्तो येरादारी आनी पादाचारी हांचेर जावपी परिणाम मतीत घेतलो ना. वाडील्ल्या रेल्वे येरादारीक लागुन फाटक आशिल्ल्या रेल्वे क्रॉसींगाचेर परत परत ब्लॉक जावन गर्दी जातली आनी ताका लागुन थळावी लोकसंख्या, वेवसाय आनी आपत्कालीन सेवांचेर परिणाम जातलो. i. अभ्यासात अशे निश्पन्न जाला की 0.05% ते 1% कोळसो येरादारी वेळार शेणता. हे प्रमाण येरादारीचो प्रकार आनी फेरयेच्या अंतराचेर निंबुन आसता, मात देशभरातली सगली कोळश्याची येरादारी मतीत घेतल्यार हे प्रमाण खुप जाता. विस्तारा उपरांत फक्त PP च्या वावरांतच एमपीटी ते तोरानगल्लु रेल्वे रुळा मजगती 415 किमी रेल्वे लायनींत दर वर्सा 130000 MT कोळसो/कोक शेणुन ताचो फैलाव जातलो. अंशीक शमन उपाय म्हणुन, निमाण्या EIA/EMP त सकयल दिल्ले उपाय मतीत घेवचे अशे हांव सुचयता. a. कोळश्याचो धुल्ल भायर पडचो न्हय म्हण धातु वा फायबरग्लास धांपणी कोळश्याच्या गाडयांक बसोवची. योगायोगान कोळसो येरादारीत ही संसारातली सगल्यात उत्तम कृती म्हण मानतात. गोंयाक संसारातल्या उत्तम कृतीचो अधिकार आसा, ताडपत्री हया दुरयम श्रेणीच्या उपायाचो न्हय.	संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. रेल्वे येरादारी हो चालू वावर. क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण अतिरीक्त म्हालाची हाताळणी आस्पावन घेवपा खातीर विस्तराची गरज ना, कारण अतिरीक्त म्हाल हाताळपाक सद्याची साधनसुविधा फावो तितली आसा. b. कोळसो धांपिल्ल्या रेल्वे डब्यातल्यान येरादारी करतात. ट्रेनीचे डबे धांपपाचो वावर लोडींग वावरा उपरांत बेगोबेग आनी आपचलीत रितीन पुरायपणान दोरीन सुरक्षीत करुन इन-मोशन वाहन लोडींग यंत्रणा वापरुन करतात, हाका लागुन कलसोय म्हाल भायर करपाची कसलीय शक्यताय उरना. हो शून्य- आडवाद आनी शून्य चुक वावर, जो प्रकल्पाचे प्रस्तावक पुराय कडकपणान करतात. c. SWPL वरवी रेल्वे रुळाचे दोट्टीकरण करपाचो प्रस्ताव ना. मालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुविधेत आस्पावन घेवपाक जाता. d. कोळसो धांपिल्ल्या रेल्वे डब्यातल्यान येरादारी करतात. ट्रेनीचे डबे धांपपाचो वावर लोडींग वावरा उपरांत बेगोबेग आनी आपचलीत रितीन पुरायपणान दोरीन सुरक्षीत करुन इन-मोशन वाहन लोडींग यंत्रणा वापरुन करतात, हाका लागुन कलसोय म्हाल भायर करपाची कसलीय शक्यताय उरना. हो शून्य- आडवाद आनी शून्य चुक वावर, जो प्रकल्पाचे प्रस्तावक पुराय कडकपणान करतात. e. उपकार करुन 84(iv.d) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात f. रेल्वेचो वावर भारतीय रेल्वेच्या नियंत्रणात आसा. g. उपकार करुन 84(iv.a) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात h. सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी ना. प्रस्तावीत म्हालाची येरादारी, सद्याच्या रेल्वे रेळाच्या अतिरीक्त क्षमताये वरवी ताच्या विस्तारा बगर करतले. i. उपकार करुन 84(iv.d) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात a. कोळश्याची वाहना जीओटेक्स्टायल /लवचीक पोलीथीन चादरांनी धांपप हे सार्वत्रीक, उद्देगान मान्य केल्ले /नेम आनी प्रभावी पद्दत आसा. धापिल्ल्या वाहनांतल्यान उत्सर्जन जावपाची

	b. उरिल्लो कोळसो परत मुरगाव बंदरात वचपा पासुन आडावपाक परावलंबी भार पुरायपणान काडप आनी अनलोडींगा उपरांत कोळसो गाडयो नितळ करप/धुवप. c. AAQ देखरेख स्थानकां रेल्वे कॉरीडॉरा बरोबर गोंय SPCB स्थापन केल्यात, आनी ताचो खर्च PP न करप. d. रेल्वे रुळावेल्या फाटक आशिल्ल्या सगल्या मुखेल रस्तो क्रोसींगाचेर उड्डाण पुलांचे बांधकाम.	शक्यताय ना. तशेच, उपकार करुन आमचो 84(iv.d) क दिल्लो प्रतीसाद पळयात. b. रोलींग साठ्याचेर आमचे कांयच नियंत्रण ना कारण तो भारतीय रेल्वेच्या मालकीचो आसा. साठो तांच्या मुक्कामार वाहन-टिपलींगावरवी रिती करतात, जाका लागुन कसलोय बाकी म्हाल उरपाची शक्यताय नासता. म्हळा तशे परजीवी माल, आसलो जाल्यार वाहनाच्या पोंदा पडुन उरुन वायु उत्सर्जन जावपाची संभावना ना. c. प्रस्न आमका विचारुंक ना. d. रेल्वेचो वावर भारतीय रेल्वेच्या नियंत्रणांत आसा.
v.	दर दीसा 7 लाख लीटर उदकाची पुरवण करपाच्या स्रोताच्या वाठारात उदकाचो ताण ईआयए त अभ्यासूंक ना: a. अर्ज फॉर्म I त पुराय ऑपरेशनात 7 KLD ची अपेक्षा उक्तायल्या जी गोंय PWD च्या सद्याच्या वाटणीतल्यान पुराय करतले. ईआयए अहवालाच्या मसुद्यात कोश्टक 4.4 त वाडी उपरांत उदकाचो वापर 5 KLD म्हळा जो सध्या 3.1 KLD आसा. प्रस्तावीत प्रकल्पा खातीर उदकाचो वापर 625 थळाव्या घराब्यांची दिसपट्टी गरज पुराय करपाक फावो तीतली आसा. b. ईआयए अहवालात ह्या मोलादीक सामाजीक स्रोतां कडेन पुरायपणान आडनदर केल्या आनी वाठारातलो उदकाचो ताण वा PWD च्या पुरवणे वेलो ताण मतीत घेवपाक अपेस आयला. c. सांड उदक प्रक्रीया सुवीधा, उदकाचो पुनर्वापर, उदकाचे संवर्धन आनी भूजल परत भरपाक पावसाच्या उदकाचो साठो हांचो तपशील आस्पावीत करुंक ना. d. राज्यांच्या जायत्या वाठारात उदकाचो भरपुर उणाव आसा आनी टँकरा वरवी उदकाची पुरवण करची पडता. कर्नाटकांत येरादारी करपा खातीरच्या कोळश्याच्या साठ्याचेर फवारणी करुंक हे जांय.	a. धुल्ल दमना खातीर प्रस्तावीत 700 kld उदकाचे अपेक्षीत प्रमाण फॉर्म 1 त नमुद केल्ले. ईआयए अहवाल, प्रकरण 5, विभाग 5.3.2, पान क्र. 5-15 त प्रमाणात 500 kld इतली सुधारणा केल्या. बंदर टर्मीनलाचेर सद्या MPT च्या STP कडल्यान 200-250 kld प्रक्रीया केल्ले सांड उदक वापरता. बायणात PWD च्या कार्यरत आशिल्ल्या 2300 kld CETP कडल्यान धुल्ल दमना खातीर उदकाचे अतीरिक्त प्रमाण घेवपाचो प्रस्ताव आसा. म्हळ्यारच खंयच्याय प्रतीस्पर्धी वापरकर्त्याकडेन उदक घेवचे ना. b. वयर केल्ल्या आमच्या वक्तव्या उपरांत हे निरीक्षणाचो संबंध ना. c. विस्तारीत जल संतुळन आकृती ईआयए अहवाल, प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5.3.2, पान क्र. 5-15 चेर दिला. d. वयर केल्ल्या आमच्या वक्तव्या उपरांत ह्या निरीक्षणाचो संबंध ना.
vi.	सद्याच्या वावरात PP चे पर्यावरणीय नेमांक पाळो दिंवप निर्शणेचे आसा. गोंय SPCB EPA 1986 खाला सकयल दिल्ल्या मान्यतायेच्या उल्लंघना खातीर PP निर्देश जारी केल्यात. a. जो मेरेन गोंय SPCB स्रोत विभाजन अभ्यास करीना आनी PP चे सद्याचे कोळसो हाताळणी वावर पर्यावरणीय नेमां प्रमाण आसात हांचे प्रमाणन जायना तो मेरेन फुडल्या विस्ताराक परवानगी मेळची ना. b. फाटल्या दसकांत मुरगाव पत्तन न्यासातल्या सद्याच्या वावराक लागुन जावपी व्हडा प्रमाणातले अमर्यादीत कोळसो कोक प्रदुशण वास्को शार आनी सरभेवतणच्या वाठारात पळयला, हाचो गुन्यावकार PP, सावथ वेस्ट पोर्ट आनी अदानी मुरगाव बंदर टर्मीनल ली. चलयता. c. हो दावो सिद्ध करुंक विधानसभेतल्या तपासातल्या रुपात भरपुर डेटा आसा, सद्याच्या भूरांकुळ वायु प्रदुशण पांवड्यार फुडली भर घालपाक परवानगी दिवपाक ते उपयुक्त थारतले. d. AAQM चो डेटा जोडला जो AAQ मानकांच्या उल्लंघनात आसा. जो अदानी कोळसो टर्मीनलाच्या संयोजनात आसा.	a. GSPCB न दिल्ल्या निर्देशांचे गरजेचे पालन योग्य रितीन आनी बेगोबेग केल्ले आनी योग्य प्रक्रियेक पाळो दिवन प्रकरण सुटावे केल्ले. CPCB न अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. b. ईआयएचो भाग म्हण केल्ले सरभोवतणचे विश्लेशण तशेच हेर नियमीत देखरेख अशे दाखयता की सरभोवतणच्या हवेचे मानक उत्सर्जन नियंत्रण उपाय जाग्यार आशिल्लयान टर्मीनलाच्या वाठारात निश्चीत केल्ल्या पल्ल्यात आसा. c. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवंक ना. d. वक्तव्य PP क निर्देशीत नाशिल्ल्यान प्रतीसाद दिंवक ना.

	e. हाचो परिणाम म्हण, वास्को आनी मुरगाव तालुक्यांतले नागरीक आनी खासा करुन आमच्या भुरग्यांक कोळश्याच्या धुल्लाच्या उच्च PM10 पांवड्याच्या प्रकाराक सेगीत संसर्ग जाल्ल्यान हानी जाता आनी गंभीर भलायकेच्या समस्येची बाधा जाता, जांतुत श्वसनाची दुयेंसा, इस्कीमीक काळजाची दुयेंसा आदींचो आस्पाव आसा. तरीय PP चो ईआयए अभ्यास अहवाल अशे दाखयता की PM पांवडो नेमां भीतर आसा. योग्य उदरगती वांगडा प्रदुशण नियंत्रणात दवरपाक कडक उपाय आसपाक जाय. ह्या परिस्थीतीत गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ स्रोत नियुक्ती अभ्यास हातात घेवपाचो प्रस्ताव दवरता.	e. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात.
vii.	प्रकल्पाची सुवात CRZ वाठारात येता. गोंय किनारी वाठार वेवस्थापन अधिकारणीची (GCZMA) मान्यताय, शिफारस मेळयिल्ली ना. स्वाभावीकपणान प्रकल्प CRZ अधिसूचोवणी 1991 च्या कार्यक्षेत्रा खाला येता. हे फॉर्म -I पॅरा 1 (मुळावी म्हायती) अ. क्र. 24 तशेच ईआयए अहवालाच्या मसुद्याच्या पॅरा 1.5 आनी 1.7 त मान्य केला. मात, गोंय किनारी वेवस्थापन आधिकारणीची मान्यताय/शिफारसी PP न सादर करुंक ना. अश्यो मान्यताय /शिफारसी भोवशीक सुनावणे वेळार छाननी खातीर मुखार दवरुंक जाय.	CRZ अधिसुचोवणी 2011, (दुरुस्त) खाला CRZ मान्यताये खातीर अर्ज, गोंय किनारी वाठार वेवस्थापन अधिकारणीच्या छाननी खाला आसा. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 (दुरुस्ती) त भोवशीक सल्लोमसलतीचो भाग म्हण CZMA शिफारसी आस्पावीत करपाची तजवीज ना.
viii.	चिखली सांकवाळे खाडी सारख्या जैववीवीधताय दायज सुवाते वेल्या पर्यावरणीय परिणामांचे विश्लेशण करुंक ना: a. प्रकल्प सुवाते कडल्यान उत्तरेक 5 किमी अंतराचेर चिखली सांकवाळे खाडीत जैवविवीधताय दायज सुवातीचे अस्तीत्व PP न दामुन दवरला. PP न अश्या सगल्या पर्यावरणीय संवेदनशील वाठारांची वळेरी अर्ज फॉर्म I च्या पॅरा 9 (III) त दिवपाक जाय, मात पर्यावरणीय नदरेन नाजूक वाठाराचे अस्तीत्व EAC कडल्यान लिपयला. b. गोंय राज्य जैवविवीधताय म्हामंडळान सांकवाळे खाडी "जैवविवीधताय दायज सुवात" म्हण जाहीर करपाचो प्रस्ताव हालीच दवरला. c. CSIR-NIO अभ्यासात अशे दिसून आयला की, चिखली खाडी सागरी जैवविवीधतायेत समृद्ध आसा जंय 200 वयर प्राण्यांच्यो प्रजाती आनी 34 पादक प्लवक (phytoplankton) प्रजाती तशेच चीपांची झाडां आनी मॅक्रोफॉयट्स आसात. d. वींडो पॅन ऑयस्टराचो *Placuna Placenta* चो सैमीक साठो बरे स्थीती आनी संख्येत सापडला. e. ह्या वींडोपॅन ऑयस्टर *Placuna Placenta* चे अस्तीत्व आनी प्रकल्पाचो ह्या दुर्लभ प्रजातींचेर परिणाम, ईआयए अहवालात मतीत घेंवक ना, हे कोश्टक 3.28 तल्यान दीसता. f. EAC कडल्यान हे महत्वाचे पर्यावरणीय सत लीपयील्ल्या उपरांत, ईआयए अहवालाच्या मसुद्यात ह्या पर्यावरणीय नदरेन नाजुक वाठाराची कुजबुज लेगीत ना, प्रस्तावीत वावराचो ताजेर परिणाम आनी अश्या परिणामांचे शमन करपाचे उपाय मतीत घेवपाचे सोडुनच दी.	2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशनाचे अधुनिकीकरण करपाचो हो प्रस्ताव आसा. धक्को /सागरी वटेन कसलोच बदल करपाचो प्रस्ताव ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
ix.	सद्याच्या वावरा खातीर EC त दिल्ल्या अटींच्या अनुपालनाच्या दर्ज्याचो प्रमाणीत अहवाल सादर करपाकडेन PP न दुर्लक्ष केला, जे MOEF पत्रक क्र. F. No. J-11011/618/2010/IA-II(I) तारीख 30.05.2012 खाला सक्तीचे आसा.	अर्द वर्सुकी EC अनुपालन अहवाल MoEFCC RO, बेंगलोर हांगा नेमान सादर करतात. आमी प्रमाणीत EC अनुपालन अहवाला खातीर MoEFCC RO, बेंगलोर हांगा अर्ज केला. आनी

	चालू/सद्याच्या वावरा खातीर RO, MOEFCC न EC अर्ज दाखल करतना EC त घालुन दिल्ल्या अटींच्या अनुपालनाच्या दर्ज्याचो प्रमाणीत अहवाल सादर करपाक PP क अपेस आयला आनी दुर्लक्ष केलां. खरे म्हळ्यार, खंयच्याय सक्षम प्रधिकरणाक PP नेमान अनुपालन अहवाल सादर केल्ल्याची नोंद ना. म्हज्या आरटीआय प्रस्नाक जाप दिवन मुरगाव पत्तन न्यासान म्हाका जून 2016 त लिखीत रुपांत कळयला की तांच्याय कडेन ह्या संबंधान कसल्योय नोंदी ना.	प्रक्रीया चालू आसा.
x.	PP न आयज मेरेन EC त निर्धारीत जायत्या गंभीर अटींचे पालन करुंक ना. फाटी दीला ताचो विस्तार करतना हांव फुडे तुमचे नदरेक हाडुन दिंवक सोदता की, EC न घालुन दिल्ल्या साबार अटींचे PP न पालन करुंक ना. a. अट (vii) त हेर अटीं वांगडाच दर हेक्टर सुवातेर 2000 ते 2500 झाडांचो हरीत बफर तयार करपाची गरज आसता. अशे तरेचो हरीत पट्टो फाटल्या 16 वर्सांत तयार करुंक ना. b. अट (xi) त हेर अटीं वांगडा पर्यावरण विभागान एकठाय केल्ल्यो नोंदी आनी डेटा योग्य विश्लेशणा वांगडा आनी सुधारणा उपायां वांगडा RO. MOEF, SR, बेंगलुरु हांगा सादर करपाची गरज आसा. c. तशेच, अट xiv प्रमाण PP स म्हयन्याच्या नियमीत कालांतरात सुरक्षेच्या उपायांच्या अंमलबजावणे वीशी मंत्रालयाक कळोवप गरजेचे आसा. वयर म्हळा तशे, भोवशीक क्षेत्र वा मुरगाव पत्तन न्यासा कडेन अश्यो अनुपालन नोंदी उपलब्ध ना.	a. 1400 m^2 (साधारणपणान) चो आस्पाव आशिल्लो हरीत पट्टो जांतुत 700 झांडांचो आस्पाव आसा, प्रकल्प सुवातेर वाडयला. वाठार हरीत करुंक आनी क्षणीक उत्सर्जन धरपाक सगले यत्न केल्यात. b. वायु, उदक, आवाजाचो दर्जो हांची नेमान देखरेख करतात आनी अर्द वर्सुकी EC अनुपालन अहवालाचो भाग म्हण MoEFCC RO, बेंगलोर हांगा सादर करतात. c. स म्हयन्याळो देखरेख अहवाल RO, MoEFCC, बेंगलोर आनी GSPCB धाडतात.
ix.	कोळसो साठो यार्डातले प्रदूशण आनी व्हावपी उदक हांका लागुन जावपी पर्यावरणीय परिणामांचे शमन करपाक प्रस्तावीत उपाय पुरायपणान अपुरे आसात. a. ईआयए त शमन उपाय अहवालाच्या मसुद्याच्या पान 4-11 त कथीतपणान दाखयल्यात, मात कोळसो साठो यार्डातल्यान जावपी प्रवाहाचेर प्रक्रिया करपा खातीर प्रस्तावीत उपाय हे फसवे, फक्त भाकड वक्तव्यां, आनी पुरायपणान अपुरे आसात. ईआयए अहवालात सेटलींग टाकयेची क्षमताय दिंवक ना. हाचे वेल्यान अशे स्पश्ट जाता की, भरपुर पावसाच्या दिसांनी, कोळश्यातले विखारी सल्फर कंपावंडस पावसाच्या उदकाक लागुन व्हावतले आनी पर्यावरणाची हानी करतले. कोळसो वापराच्या क्रमांत कोळश्याच्यो मनीस निर्मीत वस्त जायत्या पांवड्यार सागरी पर्यावरणात वतात. कोळसो उत्पादन आनी आयात करपी देशांत साठो आनी लोडींग सुवीधा आसा त्या वाठाराच्या लागसार सागरी पर्यावरणात कोळश्याचे भरपुर प्रमाण संभाव्य आसता.	गरज पडता तशे धुल्लाच्या दमना खातीर आनी उजो पालोवपाक कोळश्याच्या म्हालाचेर नियंत्रीत पद्धतीन उदकाची फवारणी करतात. हे उदक म्हालात पुरायपणान शोशुन वता. उदकाची फवारणी /फॉगींग आनी अग्नीशमन वावराक लागुन व्हांवपी उदक तयार जायना. हेर मोसमा वरीच पावसाच्या दीसांनीय म्हालाचो धापिल्ले परिस्थीती साठो करुन दवरतात. सुधारणा सुवातेर म्हालाच्या धाकल्या उक्ते सुवातेक लागुन धांवते उदक तयार जाता जे साठो (स्थायीक) तळ्यात एकठाय करतात. जंय गाळ बसता जाता. कोळसो हो सैमीक तरेन तयार जावपी भुगोलीक म्हाल आनी वीखारी/धोकादायक म्हाल न्हय.. विस्तारा उपरांत, टर्मीनलाचेर म्हालातल्यान व्हांवपी उदक तयार जाले जाल्यार ते हाताळपाक 36mx8mx5m आकाराचे डंप तळे सक्षम आसतले.
xii.	निश्कर्श म्हणुन हांव अशे म्हणता की प्रस्तावीत प्रकल्पाचो ईआयए म्हळ्यार काळीमा आनी निश्काळजीपणान, हेतुन आनी बेफीकरीन केला. PP न महत्वाचे पर्यावरणीय सत दामुन दवरला आनी चुकीचे पद्धतीन दाखयला. पर्यावरण संवेदनशील वाठार आनी जैवविवीधताय दायज क्षेत्राच्या अस्तीत्वा कडेन दुर्लक्ष केलां. ईआयए अहवालात गंभीर मुद्दयाकडेन दुर्लक्ष केला, विश्वसनीयताय ना. रेल्वे डब्यातल्यान कोळश्याच्या येरादारीचे पर्यावरणीय परिणामां कडेन दुर्लक्ष केलां.	WAPCOS हे QCI NABET चे मान्यतायप्राप्त सल्लागार, तांका कीतल्याश्याच प्रकारच्या प्रकल्पांत अणभव आसा. संबंधीत तज्ज्ञांचो सहभाग आनी मान्यतायप्राप्त ToRs च्या चौकटेतल्या कुशळतायेत ईआयए केला.

	EAC न सुवात वा उप पंगडाक भेट दिवची अशे म्हणता आनी सुचयता.	
78. कुस्तोदियो डी सोझा, गोवा अगेन्स्ट कोल, वास्को		
i.	गोंयातल्यान कोळसो आयात करपाचो विचार जाणुनबुजन लिपयला: हो प्रकल्प MPT तल्या कोळसो हाताळणीत कितल्याश्याच पटीन वाडीचो आसा, जाची फुडे कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी आंध्र प्रदेशांतल्या ग्रामीण वाठारात वशील्ल्या आनी प्रस्तावीत उर्जा प्रकल्प आनी स्टील प्रकल्पा खातीर येरादारी जातली. म्हणुन, पर्यावरणीय आनी सामाजीक -अर्थीक परिणामाच्या अभ्यासाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीत सकयल्या गोश्टींचो आस्पाव गरजेचो आशिल्लो; a. समुद्र, न्हंय आनी खाडीचे ड्रेजींग b. बंदराचेर धक्क्याचे बांधकाम आनी विस्तार c. बंदर न्यासाचेर कोळसो हाताळणी d. वाडीव कोळश्याची कर्नाटकांत येरादारी करच्या खातीर रेल्वे आनी रस्तो जोडणेचे बांधकाम e. कर्नाटका आनी हेर राज्यांनी प्रस्तावीत स्टील आनी उर्जा प्रकल्प. f. PP न प्रकल्पाचे खरे रुप MoEF कडल्यान लीपोवन पुरायपणान फटींगपणा केल्यात. g. MoEF न हेर प्रकल्पांची म्हायती उपलब्ध आसुनय पुराय प्रकल्प मतीत घेयनास्तना आनी ToR जारी करुन पुराय तरेन चूक केल्या. h. अदानी, JSW आनी हेरां खातीर गोंय हे कोळसो हब करपाचो विचार आसा हे सत सरकारान जाणुन बुजुन लिपयला. i. भारतीय संवीधाना प्रमाण लोकां कडेन सल्लोमसलत करुन सगले नियोजन करप गरजेचे आसा.	a. आधुनीकीकरण आनी परिणाम स्वरुप क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग ड्रेजींग ना. प्रस्तावीत आधुनीकीकरणात ड्रेजींग आसा वा ना, ताचो सद्याच्या उदरगतीचेर परिणाम जायना. b. ह्या आधुनीकीकरण प्रकल्पा खातीर अतिरीक्त धक्को वा अतिरीक्त बंदराची गरज ना. c. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवंक ना. d. सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्तो येरादारी ना. SWPL वरवी रेल्वे रुळाच्या विस्ताराचो प्रस्ताव ना. म्हालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुवीधेत आस्पावन घेवपाक जाता. e. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवंक ना. f. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. g. उपकार करुन 1(i) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात h. प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवंक ना. i. भोवशीक सल्लोमसलत हो ईआयए अधिसुचोवणी 2006 च्या EC प्रक्रीयेचो वांटो आसा आनी जनतेच्या मागणे प्रमाण ती घेतल्या.
ii.	पर्यावरणीय कायद्यांचे उल्लंघन करच्या खातीर कामाच्या व्याप्तीचे कुडके: प्रकल्पाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीत सद्या मुरगांव बंदरात ड्रेजींग करप (आनी फुडारात गोंयातल्यो 6 न्हंयो), मुरगांव, साश्ट आनी तिसवाडी तालुक्यांतल्यो जायत्यो नुस्तेमारी सुविधा बळकावप, कोळसो हाताळणी खातीर धक्के आनी जेटी बांदप, सद्या आशिल्ल्या धक्क्यांचो विस्तार/उदरगत, 4 पदरी म्हामार्गाची बांधणी आनी आमचे गांव, आनी अस्तंत घाटातल्यान सावथ-वेस्टर्न रेल्वे रुळाचे दोट्टीकरण हांचो आस्पाव आसा. अशे दिसता की, PP फक्त अभ्यासात धक्को 5A आनी 6A सोडुन हेर संबंधीत कामांकडेन मुद्दाम जावन दुर्लक्ष केला, आनी ईआयए अधिसूचोवणीचे उल्लंघन केलां. प्रकल्प ल्हान ल्हान विभागांत वाटुन घालां, जे स्वता पुरते अर्थशून्य आसा. पर्यावरण, अर्थकारण आनी गोंयच्या समाजावेलो गंभीर परिणाम लिपोवपाचो हो अप्रामाणीक यत्न आनी ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 चे उल्लंघन.	उपकार करून 1(i), 84(iv.c), आनी 85(i.a) क दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात

iii.	गोंयच्या नुस्तेमारीचो विध्वंस: गोंया वरवी कोळसो आयातींत वाड करपाची प्रस्तावीत येवजण सागरमाला खातीरच्या निमाण्या अहवालात (खंड V) दिल्या. ह्या अहवालातल्यान हे स्पश्ट जाता की मुरगांव तालुको आनी बेतुल नुस्तेमारी गांवांतलो नुस्तेकार समुदाय ह्या प्रकल्पाक लागुन पुरायपणान विस्थापीत जातलो. मुरगांव बंदरावेले प्रस्तावीत ड्रेजींग मुरगांव हार्बर आनी वास्को खाडी, चिखली आनी सांकवाळे सारख्या सरभोवतणच्या वाठारातल्या नुस्तेमारीचो पुरायपणान विध्वंस जातलो. रस्ते जाळे, कार्यशाळा आनी CFs सुविधांक लागुन बायणांतले नुस्तेमार पुरायपणान विस्थापीत जावपाचो प्रस्ताव आसा. गोंयातल्या अंतर्गत भागात कोळसो हाताळणी व्हरपाक, न्हंयो, जमनी आनी गोंयातल्या अंतर्गत वाठारातल्या गांवांत विध्वंस पातळोवच्या खातीर, 6 न्हंयाचे राष्ट्रीयकरण आनी ड्रेजींग करतात. ह्यो विध्वंसक येवजणों गोंयच्या नुस्तेमारी उद्देगाची पुरायपणान वाट लायतल्यो, वेगळ्या सागरी जीवीताच्या जैववीवीधतायेचो विध्वंस करतल्यो आनी गोंय राज्याच्या सामाजिक अर्थीक वाठाराक हानी करतल्यो.	6 न्हंयाचे ड्रेजींग हे ह्या आधुनीकीकरण प्रकल्पाच्या व्याप्तीत येना. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. तशेच उपकार करुन 85(i.a) दिल्लो आमचो प्रतीसाद पळयात.
iv.	नुस्तेमार समुदायाचे विस्थापन: गोंयातलो नुस्तेकार समुदायाक नुस्त्याच्या साठ्याचे लुकसाण, आनी शारीकरणाची वाड, पर्यटन उद्देग आनी मायनींग सारख्या गोश्टींक लागुन तयार जाल्ल्या हेर ह्या सारख्या समस्यांनी ह्या आदीच रेंवाडो घाला, जाका लागुन नुस्तेमारीचो, नुस्तेमारी साधनसुविधा आनी नर्सरींचो विध्वंस आनी प्रदूशण जाला. कोळश्याच्या आयातीतली प्रस्तावीत वाड, ड्रेजींग आनी आवश्यक साधनसुविधांक लागुन गोंयातल्या नुस्तेमार समुदायाचे पुरायपणान विस्थापन जातले. प्रकल्पाचो आवश्यक भाग, ड्रेजींगाक लागुन आनी ह्या आदीच सुरु जाल्ल्या रस्तो बांधकामाक लागुन थेट मार बशिल्ले खारीवाडो, बायणा आनी देस्तेरोतल्या नुस्तेमार समुदायाचे जावपी विस्थापन आनी हानी हाचे प्रमाण दिवपाचो यत्न ईआयए अधिसुचोवणेत करुंक ना. बायणा, देस्तेरो आनी खारीवाड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाच्या विस्थापनाची नोंद करुंक EIA अभ्यासात अपेस आयला.	ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. आधुनिकीकरण आनी परिणाम स्वरुप क्षमताय वाड प्रकल्पाचो, ड्रेजींग भाग ना.
v.	कोळसो धुल्लाचे प्रदुशण: वास्को शार, मुरगांव, दाबोळी, चिखली, सांकवाळे, कुड्ठाळी आनी दोना पावला मेरेन झुवारी न्हंयेचो उत्तरे कडलो किनारो ह्या आदीच गंभीर कोळसो प्रदुशणाचो त्रास सोसता आनी हे सत GSPCB न जारी केल्ल्या जायत्या कारणां दाखय नोटीस आनी काम बंद कर आदेशावेल्यान मान्य जाता. जायत्यो नोटीसी आनी आदेश जारी करुनय MPT, अदानी, SWPL हांका प्रदूशण आडावप जमले ना. कोळसो आयातीतली प्रस्तावीत वाड ह्या सगल्या अती प्रदुशीत वाठारा खातीर भलायकी आनी पर्यावरणीय आपत्ती थारतली. थळाव्या लोकसंख्येच्या भलायकेचेर आनी पर्यावरणाचेर जावपी परिणाम खबर आसूनय अशे तरेच्या अती प्रदूशीत वाठारात, कोळसो हाताळणी वाडुंक जायना.	GSPCB न दिल्ल्या आदेशांचे योग्य आनी बेगोबेग पालन केल्ले आनी योग्य प्रक्रीयेक पाळो दिवन प्रकरणीचे निराकरण केल्ले. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. क्षमताय वाड पांवड्यार, योग्य APCMs स्थापीत करुन आमी उत्सर्जन मानकांक पाळो दीतले. प्रस्तावीत उत्सर्जन नियंत्रण उपाय प्रकरण 4, परिणामांचे मुल्यांकन आनी शमन उपाय, विभाग

	सद्याच्या कोळसो हाताळणी सुविधांतल्यान जावपी वायु प्रदुशण आडावपाक कितल्याश्याच तेंपाचे अपेस आनी नाईलाजाचे सत PP न मुद्दाम जावन लिपयला. ईआयए अभ्यासात GSPCB न जारी केल्ल्यो नोटीसो, राहिवाश्यांनी कितलोसोच तेंप सोशील्ले धुल्लाचे प्रदूशण आनी हयो गंभीर समस्या सुटाव्यो करपाक PP क आयिल्ले अपेस हयो गोश्टी मतीत घेवपाक पुरायपणान अपेस आयला.	4.3.4, पान क्र. 4.14 चेर दिल्यात. **प्रस्तावीत क्षमताय वाडीक लागुन वायु पर्यावरणाचेर उल्लेखनीय परिमाम जावपाची शक्यताय ना.**
vi.	रेल्वेक लागून लोकांचे विस्थापन; • कोळश्याच्या प्रस्तावीत आयातीच्या येरादारी खातरीच सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण प्रस्तावीत आसा. • सद्याचो रेल्वे रुळ गोंयातल्या उच्च लोकसंख्या आशिल्ल्या गांवातल्यान वता आनी थळाव्या समुदायाचे व्हडा प्रमाणात विस्थापन करुन रुळाचे दुपदरीकरण शक्य ना. • रेल्वे रुळा लागसरच्या थळाव्या लोकसंख्येवेलो भलायकी आनी आवाजाच्या प्रदुशणाचो परिणाम व्हडा प्रमाणात वाडतलो. • रेल्वे रुळा लागसरच्या शाश्वत अर्थवेवस्थेची हानी आनी पर्यावरणाचो विध्वंस तीतलोच भयानक आसतलो. • रेल्वे रुळाच्या दुपदरीकरणाक लागुन अस्तंत घाटाचो (WGs) विध्वंस आनी विखंडन हे WG तले वन्य जीवन आनी खासा करुन उत्तर गोंयातल्या वाठारा खातीर भंय आसा.	रेल्वे वरवी म्हालाचे स्थलांतर ही चालू आशिल्ली प्रक्रीया. क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण हाताळपाच्या प्रस्तावीत अतिरीक्त म्हालाक आस्पावन घेवपाक भारतीय रेल्वे वरवी, रेल्वे रुळाच्या विस्ताराची गरज ना, कारण सद्याची रेल्वे साधनसुवीधा अतिरीक्त म्हाल हाताळपाक फावो तीतली आसा.
vii.	NH17B आनी NH 4A लागुन लोकांचे विस्थापन; • NH 17B आनी NH4A च्या वेगवेगळ्या विभागात सद्या चालु आशिल्ले काम हे फक्त अतिरीक्त कोळश्याच्या आयाती खातीर आसा, जें जनते कडल्यान लिपयला. • ही कामां पर्यावरणीय संवेदनशील, CRZ वाठार, मुखेल कृशी जमीन, जल भरणा आनी थळाव्या समुदायाचो विध्वंस करतली. • NH 4A च्या विभागाचो विस्तार, महावीर राष्ट्रीय उद्यान/WLS कडेन WGs दुभाजीत करता हो हया कामांचोच भाग आसा. ही रानां आनी व्हडल्या देंवणशे मदल्यान रस्त्यांचो विस्तार पर्यावरणीय आपत्ती थारतली. • प्रकल्पाच्या परिणामाचीं चूकीची म्हायती दिवच्या खातीर प्रस्तावीत कोळसो आयातींतल्या वाडी खातीरच्या रस्तो विस्ताराची म्हायती जाणून बुजून लिपयल्या.	सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जावची ना. हया आधुनीकीकरणाच्या प्रस्तावाक लागुन SWPL न खंयच्याय रस्तो विस्ताराचो प्रस्ताव दवरुंक ना.
viii.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना: • PP न हया आदीच ड्रेजींगाच्या कामांचो कांय भाग पुराय केला, देस्तेरो, बायणा आनी खारीवाड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाचे विस्थापन, बायणा किना-यावेल्या रेंवेच्या ढिगा-यांचो विध्वंस आनी MPT गेट 9 वेल्यान NH 17B खातीर उड्डाण पुलाच्या बांधकामा खातीर (जें NH4A क बेळगांवा जोडता) झीज प्रवण देस्तेरो दोंगुल्ली भरप, NH 17B च्या मीसींग लींका खातीर लोटलींतल्यो खाजन जमनी भरप आनी खांडेपारा NH4A च्या विभागात दोंगुल्लेची कापणी आनी झाडां तोडप आदी. ही सगली कामां कोळसो विस्तारा खातीर आसात आनी काम सुरु करच्या आदी	निरीक्षण समा ना. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. I ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा.

	हाचो अभ्यास करुंक जाय आशिल्लो. • राज्य सरकार, MPT आनी केंद्र सरकारान मुद्दाम हे सत लोकांकडल्यान लिपयला आनी ईआयए अधिसुचोवणे खाला दिल्ल्या प्रमाण पुराय प्रकल्पा खातीर ईआयए अभ्यास करीनास्तना हे काम फुडे व्हेला. • ईआयए अधिसुचवणे खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना म्हणुन, हो प्रस्ताव न्हयकारुंक जाय आनी जमीन आनी न्हंयांचो तळ परत आशिल्लो तसो करुंक जाय.	धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.
ix.	हवामान बदल, ग्लॉबल वॉर्मींग: • भारताची संसारीक समुदाया कडेन बांधीलकी, जी ताच्या INDC त घोशीत केल्ली, त्या प्रमाण जीवाश्म इंधनाच्या वापरात 2030 मेरेन 40% उणाव हाडुंक जाय. कोळसो साधनसुविधेत वाड ही भारताच्या जीवाश्म इंधन उणो करपाच्या बांधीलकेत फुडे वचपी वाट न्हय. • NASA आनी हेर संशोधनात्मक संस्थांच्या संकेतस्थळार प्रदर्शीत केलां त्या प्रमाण संसारीक सरासरी तापमान वाडीचो दर भयानक आसा आनी आमी बेगोबेग काळसो साधनसुविधा उणी करपाक जांय. कोळश्याच्या वापराच्या वाडी खातीर हो आसा, मात हवामान बदल वा ग्लॉबल वॉर्मींगा वीशी ईआयए अहवालात उल्लेख ना, हांतुतल्या अशे दिसुन येता की प्रकल्पाचे अती महत्वाचे पैलू मुद्दाम लिपयल्यात.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो बंदर टर्मीनलाचेर कोळसो हाताळणी खातीर आसा. आधुनीकीकरण आनी सद्याच्या क्षमतायेचो बरो वापर करच्या खातीर प्रस्तावीत ब-या कार्यक्षमतायेचो परिणाम म्हळ्यार क्षमतायेत वाड. संसारीक हवामान बदल मुद्दयाचेर उपाय करप हे ईआयए व्याप्तीच्या भायर आसा.
x.	एकठाय परिणाम मतीत घेवपाक अपेस: • झुवारी न्हंय आनी तीचे मुख, मुरगांव आनी सांकवाळे खाडीतले आनी चिखलीतले किनारी उदक प्रदुशणाक लागुन आनी मनश्याचो वावर जशे की मायनींग, बंदरावेलो वावर, जहाज आनी बार्जीची बांधणी आनी दुरुस्ती, लोकवस्ती, शारीकरण, पर्यटन आनी उद्देग हाका लागुन परिणाम जाला. ईआयए अहवालात हया वावराचो आनी तांच्या एकठाय परिणामाचो कसलोच उल्लेख ना.. • ईआयए अभ्यासात हया वाठाराच्या किना-याची व्हडा प्रमाणातली झीज मतीत घेतली ना. सल्लागारांच्या मर्यादीत दृश्टीकोनाक लागुन चुकील्ले कांय महत्वाचे मुद्दे आसात; a. मायनींगाची परतुन सुरवात - माननीय उच्च न्यायालयान गोंयात नव्यान लोह खनीजाच्या खणकामाक परवानगी दिल्या. व्हडा प्रमाणांत खणकाम सुरु जाल्ल्यान समुद्र आनी न्हंयाचे व्हडा प्रमाणात प्रदुशण जातले आनी नुस्तेमारी, सागरी जिवीत आनी मार बशिल्ले नुस्तेकार हांचेर व्हडा प्रमाणात परिणाम जातलो. b. पर्यटन- पर्याटन हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेचो कणो आसा आनी हरीत आनी नितळ प्रतीमेक लागुन पर्यटक भेट दितात. कोळसो हाताळणीत वाड केल्यार डॉल्फीन्स पळोवप, कोरल रीफ डायवींग आदी, तशेच दर्या दैंगो, वास्को शार आनी विमानतळ वाठाराचेर जाल्ल्या परिणामांक लागुनय गोंयच्या पर्यटन संकल्पनेत भरपुर उणाव येतलो. c. नुस्तेमारी- मानवनिर्मीत वावराक लागुन गोंयची नुस्तेमारी, नुस्त्याच्या साठ्याच्या उणावाची खर हानी सोसता. हे उणावाच्या गंभीर पांवड्यार पावला. ईआयए अहवालात गोंयची नुस्तेमारीची	EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. आधारभूत पर्यावरणीय देखरेख MPT वाठारातल्या हेर सद्याच्या उद्देग /ऑपरेशन्सातल्यान जावपी प्रदूशण मतीत घेता. मापदंडाची देखरेख सुवातों अशे तरेन वेंचल्यात की ते वाठारातल्या वेगवेगळ्या स्त्रोतांकडल्यान जावपी प्रदूशणय दाखोवन दीता. वेगवेगळ्या पर्यावरणीय मापदंडाच्या नमुनो सुवातांचो तपशील पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, प्रकरण 3 हांगा दिला. ईआयए अहवाल आनी हेर वैदानीक सादरीकरणांत स्पश्टपणान नमुद केला की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदराच्या बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्सांच्या आधुनीकीकरणाचो आसा. धक्को/सागरी वटेन कसलोच बदल प्रस्तावीत ना. निरीक्षण समा ना. प्रकल्प वाठाराचो किनारी रेशा दर्जो प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.14, पान क्र. 3-16 दिलां. a. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. b. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना.

	भलायकी मतीत घेना. d. किनारी झीज - गोंयच्यो रेंवाळ दर्यादेगो खर झीज सोसतात आनी ताचो दस्ताऐवज तयार केला. ड्रेजींग आनी व्हडा प्रमाणातलो वावर आनी जहाजांचो आकार, झीज आनीक वाडयतले आनी अभ्यासात हे सत मतीत घेतले ना. e. रियल इस्टेट आनी शारीकरण - शारीकरण आनी रियल इस्टेटीक लागुन न्हंयो, समुद्र आनी जमनी सयत अभ्यास क्षेत्रात गंभीर परिणाम जाल्यात, जाका लागुन सागरी आनी जमनीच्या पर्यावरणाचेर तशेंच अर्थवेवस्था आनी गोंयच्या समाजाचेर खर प्रदूशण, झीज, गाळ साचप आनी हेर न्हयकारी परिणाम जातात. ईआयए अहवालात ह्या परिणामांचो संदर्भ ना. f. गोंयची वहन क्षमताय - गोंयची ल्हान जमीन आनी उदका मार्ग पारंपारीक रितीन वापरतात आनी ताका लागुन शाश्वत अर्थीक आनी सामाजिक उदरगत जाल्या. आयज तीच जमीन आनी उदक खाजगी लावा खातीर जशे की जशे की अदानी आनी JSW, 5 तारांकीत हॉटेलां, क्रुज जहाज पर्याटज, कसीनो, मरीना, उद्देगीक वाड, शीक्षणीक आनी वैजकीय संस्था, रीयल इस्टेट, मायनींग आनी साधनसुवीधा प्रकल्पां हांच्या खातीर वळयला, जाका लागुन गंभीर संघर्श जाल्यात. हे आवश्यक आसा की, गोंयचो सद्याचो अर्थीक वावर आनी तांचो एकठाय परिणाम मतीत घेवन राज्याची वहन क्षमताय आदी पळोवची.	c. ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, कोश्टक 3.14, पान क्र. 3-75 हांगा दिल्ले म्हायतीत 2011ते 2015 काळांत सागरी नुस्ते उत्पादनात वाड जाल्ल्याचे दाखयता. (स्त्रोत- नुस्तेमारी संचालनालय, गोंय सरकार). d. आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. e. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. f. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना.
xi.	अपुरो आनी उथळ ईआयए अभ्यास: प्रकल्पा खातीर केल्लो ईआयए अभ्यास सकयल दिला त्या प्रमाण पुरायपणान दोशपुर्ण, अपुरो आनी ईआयए अधिसूचवणेचे पुर्ण उल्लंघन करता; a. फॉर्म I त सत पुरायपणान लिपयला : • फॉर्म I ची प्रत उपलब्ध ना. PP न फटीचे फॉर्म I सादर केला. प्रकल्पात बंदर आनी प्रवेश कालव्याचे ड्रेजींग, कोळसो हाताळणीत वाड आनी ताचो परिणाम म्हण प्रदूशण, सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण आनी NH 17B आनी 4A चे बेळगाव मेरेन चार पदरीकरण हे सत तांतुत लिपयील्ल्यान ते अपुरे आसा. • अभ्यास क्षेत्रातल्या असंख्य अनुसुचीत I प्रजाती आनी प्रवाळी आनी गोंयच्या पारंपारीक नुस्तेमारी खाडीचे सामाजिक-अर्थीक महत्व फॉर्म I त सुचीत करुंक जाय आशिल्ले. b. तीनूय अभ्यास वयले वयले आसात आनी अहवालात डेटा कॉपी पेस्ट केला.: तीनय अभ्यास एकाच वेळार एकच सल्लागार WAPCOS हांणी केलां. तीनय अभ्यासात पुराय वळख आनी कांय भाग कॉपी पेस्ट केला. ईआयए अभ्यासात अभ्यास क्षेत्राच्या सामाजिक -अर्थीक आनी पर्यावरणीय वास्तवा कडेन आडनदर केल्या. c. अपुरो आनी अपुर्ण ToR: ToR लेगीत उपलब्ध ना, मात सहाजीकच तो पुरायपणान अपुरो आसा कारण न्हंयाचे ड्रेजींग, येरादारी साधन सुविधा, वाडिल्ले कोळसो हाताळणी ऑपरेशन्स आनी ताचो परिणाम म्हण लोक आनी पर्यावरणाचेर पडपी प्रभाव हे प्रकल्पाचे भाग मतीत घेवपाचे निर्देश	निरीक्षण समा ना. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. a. भोवशीक सल्लोमसलती खातीर प्रसारीत केल्ल्या ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो फॉर्म I भाग आशिल्लो. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य

	सल्लागाराक दिंवक ना. कोरल रीफ, अनुसूची I तल्यो प्रजाती आनी नुस्तेमार समुदायाचो उल्लेख करपाक आयिल्ले अपेस हाका लागुन ToR अदीक असंबद्ध आनी अपुरो जाता. d. साहित्यीक अभ्यास आनी दुय्यम डेटाचो संदर्भ घेवपाक आयिल्ले अपेस: ईआयए सल्लागारांक भोवशीक क्षेत्रात उपलब्ध आशिल्ले दस्ताऐवज आनी WWF, NIO आदींनी अभ्यास क्षेत्रातल्या समृद्द वनस्पत आनी प्राणी जैववीवीधतायेचेर (डॉल्फीन्स, व्हेल, समृद्द कोरल रीफ आनी अनुसूची I तली स्थळाच्या मूळाची वनस्पत आनी प्राणी) केल्ल्या अभ्यासाचो संदर्भ घेवपाक अपेस आयला. अभ्यास क्षेत्रातली व्हडा प्रमाणातली पारंपारीक नुस्तेमारी आनी समृद्द नुस्तेमारी आनी तांचे अर्थीक महत्व. वास्कोतल्या थळाव्यांक तोंड दिवचे पडता ती जुनाट कोळसो प्रदुशणाची समस्या आनी GSPCB कडल्यान जायत्यो नोटीशी मेळुनय ह्यो समस्या सुटाव्यो करपाक कंपनीक आयिल्ले अपेस. e. मुळावो अभ्यास करुंक आयिल्ले अपेस: अभ्यास क्षेत्राच्या 10 किमी परिघातल्या पर्यावरणीय आनी सामाजीक अर्थीक विशयाचेर कसलोच मुळावो अभ्यास करुंक ईआयए सल्लागारांक अपेस आयला. कोळसो प्रदुशणाचो मुद्दो अधोरेखीत केल्ल्यान रहीवाश्यांक तोंड दिवचे पडतात त्या वायु प्रदुशणा कडेन संबंधीत भलायकेच्या मुद्द्याचेर प्रस्तावकान तपशीलवार अभ्यास करपाची गरज आसा. f. पुरायपणान चूकीचो आधारभूत डेटा: अर्थपूर्ण आधारभूत डेटा नाशिल्ल्यान ईआयए अभ्यास फटीचो आनी असंबद्ध जाता. देखीक, अभ्यास क्षेत्रात डॉल्फीन, व्हेल, कोरल रीफ, नर्सरी आदी ना अशे म्हणून, अभ्यास क्षेत्राच्या जैवविवीधताये कडेन ईआयए अभ्यासात पुरायपणान आडनदर केल्या. अभ्यास क्षेत्रात रावपी नुस्तेमार आनी तांचेर निंबून आशिल्ल्यांचो आकडो जो दिला ताचे परस खुप अदीक आसा. ड्रेजींग आनी कोळसो हाताळणीक लागुन जावपी नुस्तेमा-यांच्या अर्थीक आनी सामाजीक विस्थापनाचे प्रमाण दिवपाचो यत्न करुंक ना. g. ईआयए अहवालात निराधार वक्तव्यां: ईआयए अहवालात संदर्भ दीयनास्तना वक्तव्यां केल्यात. h. गंभीर विध्वंसक परिणाम मुद्दाम लीपयल्यात: सल्लागारान अभ्यास क्षेत्राच्या पर्यावरणीय, अर्थीक आनी सामाजाचे प्रत्यक्ष स्वरुप फटींग दिला आनी लिपयला. पर्यावरण आनी सामाजिक -अर्थवेवस्थेचेर परिणाम खुप कमी जातलो अशे फटींग चित्र निर्माण करच्या खातीर आधारभूत डेटात फटींगपणा करप. i. अपुरे तज्ञ आनी अभ्यास: कोळसो आयातीतली वाड, रॅव, न्हयेचे ड्रेजींग हाका लागुन लाखांनी रहीवाश्यांचेर गंभीर परिणाम जातले, कारण ताच्या परिणामांचो ह्या आदीच अणभव घेतला. मात, सद्याच्यो भलायकेच्यो समस्या आनी ताची संभाव्य वाड हाचेर अभ्यास करुंक ना. ड्रेजींग, जहाजांचो वाडीलो आकडो आनी आकार आनी कोळसो हाताळणीचो सागरी जिवीत, जैवविवीधताय, नुस्तेमारी आनी नुस्तेकारांची उपजिवीका हांचेर परिणाम ह्या वीशी योग्य अभ्यास करुंक ना. j. मनमानीपणान हेत सांगला, विचारात लेगीत घेवुंक ना: EMP कडेन संबंधीत प्रकरण 5.1 त म्हळां	अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले. फॉर्म 1 हे ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) प्रमाण ईआयए पूर्व सादरीकरण. पर्यावरणीय घटकांचो तपशील ईआयए अभ्या उपरांत सादर करुंक शकतात. b. आमचो प्रकल्प हो MPT न प्रस्तावीत केल्ल्या हेर दोन प्रकल्पांच्या परिणाम वाठाराचो भाग आसा (जशे की, 1. कॅपीटल ड्रेजींग आनी 2. धक्को 8 आनी 9 आनी बार्ज धक्क्याची सुधारणा), हे खुप तर्कशुद्ध आसा की ईआयए अहवालातले कांय घटक समान आसतले. M/s WAPCOS लि., भारत सरकार हांका ईआयए अधुसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) वा हेर खंयचेय परिपत्रक/ OMs /नोटीसी वा MoEFCC ची हेर कळोवणी वा हेर खंयच्याय वैधनीक मंडळाच्या चौकटे खाला खंयचेय सुवातेर प्रकल्प घेवपाक निर्बंध ना. c. ToR हो भोवशीक सल्लोमसलती खातीर फीरयील्ल्या ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो वाटो आशिल्लो. न्हंयांचे ड्रेजींग हे अधुनीकीकरणाचो भाग ना. d. वेगवेगळ्या सरकारी संघटनां कडल्यान प्रकल्प वाठारा खातीर संबंधीत साहित्यीक सर्वेक्षण आनी दुय्यम डेटा एकठाय करपाचो वावर केला आनी ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात नोंद केला. e. मुळावो आधारभूत अभ्यास सरभोवतणची हवा, आवाज, उदक (भूजल, पृश्ठभाग - समुद्री उदका सयत), माती (सागरी गाळा सयत), सागरी आनी जमनीच्या पर्यावरणीय आनी जैवीक घटकां, खातीर केला आनी ताचे तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात दिल्यात. प्रकल्पाच्या वाठाराची जवसंख्यांकी रुपरेशा जनगणना अहवाल, 2011 चेर आधारीत आसा. ह्या प्रकरणात दिल्ली म्हायती मुखेलपणान मुळावो जनगणना गोशावरा 2011 तल्यान घेतल्या. सामाजिक -अर्थीक अभ्यासा खातीर मुळावो आधारभूत डेटा एकठाय करुंक ना कारण प्रस्तावीत प्रकल्पाचो थळाव्या रहिवाशींचेर कसलोच प्रत्यक्ष आनी उल्लेखनीय न्हयकारी परिणाम जायना, कारण क्षमताय वाड प्रकल्पात भुंय संपादनाचो प्रस्ताव ना. आमच्या क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना.

	"ईआयए अभ्यासात EMP चे महत्व म्हळ्यार पर्यावरणावेलो ताण/भार हो वहन क्षमताये भीतर आशिल्ल्याची खात्री करप. मात पर्यावरणाची वाहन क्षमताय आनी पर्यावरणावेलो ताण हाचे प्रमाण दिंवक ना. k. पर्याय: प्रस्तावीत प्रकल्पाक खंयचोय पर्याय विचारात घेवपाचो यत्न सल्लागारांनी करुंक ना. पर्यावरणीय आनी सामाजिक-अर्थीक विध्वंस मतीत घेयनास्तना गोंया वरवी कोळसो आयात वाडोवपाचो पयलीच विचार केल्लो निर्णय हांतुत दिसता. आयात केल्ल्या कोळश्या परस देशी कोळसो वापरपाचो विचार मतीत घेवपाक अपेस. l. खर्च आड लाव: खर्च आड लाव हाचेर अभ्यास करुंक ना. आधारभूत डेटा वा खर्च आनी प्रकल्पाचे लाव हांचे प्रमाण थारावपाचो यत्न करुंक ना. m. प्रस्तावकांनी ईआयए मार्गदर्शन पुस्तीके कडेन आडनदर केल्या आनी MoEF च्या ToR मार्गदर्शक तत्वांचे उल्लंघन केलां: बंदर आनी हार्बरावेल्या 2010 पुस्तीकेत दिल्ल्या जायत्या सुचोवण्यांक पाळो दिवपाक सल्लागारांक अपेस आयला. तशेच, ईआयए अभ्यास, MoEF न ToR खातीर ऑगस्ट 2009 त जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांचे पुरायपणान उल्लंघन करता.	f. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्दयाक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.. g. साबार दुय्यम डेटा स्त्रोतांचेर आधारुन ईआयए तयार केला, जांका ईआयए अहवालाच्या वेगवेगळ्या प्रकरणात योग्य श्रेय दिलां. h. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्दयाक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. i. आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना. j. प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5., पान क्र. 5-1 त केल्ले वक्तव्य हे प्रकल्प वावराकडले न्हयकारी परिणाम ताब्यात दवरपा खातीर /सुधारपा खातीर योग्य आनी अनुरुप EMPs घालुन दिवपाच्या आधाराच्या संदर्भात केल्ले. सद्याचे ऑपरेशन्स वा प्रस्तावीत क्षमताय वाडीच्या बाबतीत खंयचेय पर्यावरणीय मापदंड तांच्या वहन क्षमताये मेरेन पाविल्ल्याचे ईआयए अहवालात दाखयना. k. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या टर्मीनल सुवीधेचे हे आधुनीकीकरण. म्हणुन पर्यायांचो अब्यास करपाची गरज ना. l. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 (दुरुस्त), परिशिश्ट III, Sr. 9 प्रमाण MoEFCC न जारी केल्ल्या अतिरीक्त ToR चो भाग म्हण आस्पावीत केल्यारुच खर्चाच्याचो लावाचे मुल्यांकन करप गरजेचे आसा. m. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला.
xii.	स्थीरताय आनी जतनायेची तत्वां मतीत घेंवक ना: ईआयएत खंयच 'स्थीरताय' वा जतनायेचे तत्व' हे शब्द नमुद करुंक ना.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.
xiii.	बेकायदेशीर आनी अवैध भोवशीक सुनावणी - 20.03.2017 दिसा निश्चीत केल्ली PH सकयल्या मुद्दयांक लागुन बेकायदेशीर आनी अवैध आसा; a. मुद्दाम जावन कामाच्या दिसा घेतल्या: PH सोमारा 1930 वरांचेर थारायल्या जो मार बशील्ल्या वास्कोतल्या नागरीकां खातीर कामाचो दिस आसा. b. वेळार प्रतिनीधीत्व करुन लेगीत मुद्दाम ल्हान सभाघरांत घेतला. c. लोकां मेरेन पावपाक अपेस - गोंयात कोळश्याची आयात वाडोवपाचो निर्णय घेवच्या आदी अधीकारीणीन लोकांक प्रकल्पाचे स्वरुप आनी परिणाम हाचे विशी म्हायती दिवपाक जाय आशिल्ली.	प्रस्न विचारुंक ना, म्हणुन जाप दिवूंक ना.

	आमी ईआयए अभ्यास न्हयकारतात कारण तो पुरायपणान फटींग आसा आनी ईआयए अधिसूचोवणेचे उल्लंघन करता. आमी हया प्रकल्पाक विरोध करतात कारण तो फक्त गोंयच्या नुस्तेकारांच्या, वास्को द गामा, मुरगाव आनी हेर मार बशील्ल्या गावांच्या रहिवाश्यांच्या, आनी समुद्र आनी गोंयच्या न्हंयाच्या जल जिवीताच्या हीताच्याच आड न्हय, जाल्यार राष्ट्रीय आनी संसारीक हिताच्या आड आसा.	
79. कुस्तोदियो डिसोज़ा, कंन्सर्न रेसीडेंट ऑफ गोवा, वास्को सुमार 3200 सयां सयत **80. वफेडरेशन ऑफ रेनबो वॉरीयर्स, मडगांव** **81. बायणा रापोणकार आनी नुस्तेमारी बोट धनी संघटना, वास्को** **82. गोंयच्या रापोणकारांचो एकवोट, कांसावली, मुरगांव** **83. ऑल्ड क्रॉस नुस्केमार बोट धनी सहकारी सोसायटी. लि, वास्को** **84. व्हीलेज ग्रुप ऑफ गोवा, मडगांव** **85. नुवे नागरी आनी गिरायक मंच, साश्ट**		
i.	MPT जमीन आनी उदक बेकायदेशीरपणान वापरता: MPT न बेकायदेशीरपणान मुरगाव कोमुनीदादीच्या मालकीची जमीन आनी नुस्तेमार समुदायाच्या हार्बर आनी समुद्रातल्या उदकाचेर आपलो ताबो दवरला. जमीन वा थळाव्या समुदायाच्या हक्कांचे कसलेच प्रकारचे हस्तांतरण केन्नाच जाले ना. जमनीची मालकी तपासुन पळयनास्तना EAC/MoEF न ToR जारी करुन आपली जापसालदारकी पुराय करपाक अपेशी थारल्यात. मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठा मुखार प्रकरण सुरु आसा.	टिप्पणी प्रकल्प प्रस्तावकां खातीर ना.
ii.	खासगी बंदरा खातीर MPT हो एक मोर्चा: हो प्रकल्प भोवशीक हीताच्या आड आसा. SWPL आनी अदानी हांका प्रचंड फायदो जावच्या खातीर फक्त आसा आनी हया खासगी म्हामंडळांच्या मालकीच्या फॅक्ट-यांखातीर हाची येवजण आसा. • हाका लागुन ग्लॉबल वॉर्मींग वाडतले - सगल्या मनीसकुळाक घातक. • हाका लागुन पुराय गोंयातलो वायु, उदक आनी जमीन प्रदूशीत जातली जाका लागुन लाखानी नागरीक ल्हवु ल्हवु मरतले. • हार्बर, न्हंयो, समुद्र, खाडी आनी खाजन जमनीतले समुद्री जीवन ते मारुन वडयतले. • ड्रेजींगाक लागुन हार्बर आनी वास्को खाडी भोवतणची नाजुक आनी पर्यावरणीय-संवेदनशील देंवती कोसळतली, जाका लागुन धा हजार नागरीक विस्थापीत जातले आनी व्हडा प्रमाणात सामाजिक-अर्थीक आनी पर्यावरणीय विध्वंस जातलो.	उपकार करुन 1(iii), 4(i.d), आनी 85(i.a) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
iii.	गोंया वरवी कोळश्याची आयात वाडोवपाची येवजण मुद्दाम लिपयल्या: हो प्रकल्प MPT चेर कितल्याश्याच पटींनी कोळश्याची हाताळणी वाडोवपा खातीर आसा जाची फुडे	• आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना.

	कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी आंध्रं प्रदेशांत वशील्ल्या आनी प्रस्तावीत उर्जा आनी स्टील प्रकल्पा कडेन येरादारी जातली. हाका लागुन, पर्यावरणीय आनी सामाजिक-अर्थीक परिणाम अभ्यासा खातीर कामाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीचो आस्पाव करुंक जाय आशिल्लो; • समुद्र, न्हंय आनी खाडीचे ड्रेजींग • बंदराचे धक्क्यांचे बांधकाम आनी विस्तार • बंदर न्यासा कडेन कोळश्याची हाताळणी • वाडिल्ल्या कोळश्याची कर्नाटकात येरादारी करच्या खातीर रेल्वे आनी रस्तो जोडणीचे बांधकाम • कर्नाटक आनी हेर राज्यांतले प्रस्तावीत स्टील आनी उर्जा प्रकल्प. • PP न MoEF कडल्यान कामाचे प्रत्यक्ष स्वरुप लिपोवन पुराय फटींगपणा केल्यात. • MoEF न हेर प्रकल्पांवीशी म्हायती उपलब्ध आसूनय पुराय प्रकल्प मतीत घेयनास्तना आनी ToR जारी करुन पुरायपणान चूक केल्या. • सरकारान गोंयाक अदानी, JSW आनी हेरां खातीर कोळसो हबात रुपांतरीत करपाची येवजण केल्या हे सत मुद्दाम लिपोवन दवरला. • सगली येवजण लोकां वांगडा करुन करची अशी भारतीय संबीधानात आवश्यकताय आसा.	प्रस्तावीत आधुनीकीकरणात ड्रेजींग आसा वा ना, ताचो सध्याच्या उदरगती कडेन संबंध ना. • ह्या आधुनीकीकरणाच्या प्रकल्पा खातीर अतिरीक्त धक्को आनी अतीरिक्त वॉटरफ्रंटाची गरज ना. • प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिंवक ना. • सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्यायावेल्यान येरादारी ना. SWPL कडल्यान रेल्वे रुळाच्या विस्ताराचो प्रस्ताव ना. म्हालातली वाड सध्याच्या रेल्वे साधनसुविधेत आस्पावन घेवपाक जाता. • प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिंवक ना, • 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. • उपकार करुन 1(i) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. • प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिंवक ना. • ईआयए अधिसुचोवणी 2006 प्रमाण भोवशीक सल्लोमसलत हो EC प्रक्रियेचो भाग आसा आनी लोकांच्या मागणे प्रमाण घेतल्या.
iv.	पर्यावरणीय कायद्याचे उल्लंघन करच्या खातीर कामाच्या व्याप्तीचे तुकडे: प्रकल्पाच्या प्रत्यक्ष व्याप्तीत, सद्या मुरगांव हार्बराचे ड्रेजींग (आनी फुडाराक गोंयातल्या 6 न्हंयातले),मुरगाव, साश्ट आनी तिसवाडी तालुक्यातल्यो कितल्योश्योच नुस्तेमारी सुविधा हातासप, कोळसो हाताळणी खातीर धक्को आनी जेटी तयार करप, सद्याच्या धक्क्याचो विस्तार/उदरगत, 4 पदरी म्हामार्गाचे बांधकाम आनी आमचे गांव आनी अस्तंत घाटातल्यान सावथ-वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण हांचो आस्पाव आसा. अशे दिसून आयला की PP न अभ्यासात धक्को 5A आनी 6A सोडुन सगल्या हेर संबंधीत कामां कडेन मुद्दाम आडनदर केल्या, आनी म्हणुन ईआयए अधिसुचोवणेचे उल्लंघन केलां. प्रकल्प ल्हान भागांत विभागला, जे फक्त एकोडे अर्थशून्य आसात. पर्यावरण, अर्थकारण आनी गोंयाच्या समाजावेलो गंभीर परिणाम लिपोवपाचो हो कुटील यत्न आनी ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 चे उल्लंघन.	उपकार करुन 1(i), 84(iv.c), आनी 85(i.a) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात
v.	गोंयच्या नुस्तेमारीचो तिध्वंस: गोंया वरवी कोळसो आयातींत वाड करपाची प्रस्तावीत येवजण सागरमाला खातीरच्या निमाण्या अहवालात (खंड V) दिल्या. ह्या अहवालातल्यान हे स्पश्ट जाता की मुरगांव तालुको आनी बेतुल नुस्तेमारी गांवांतलो नुस्तेकार समुदाय ह्या प्रकल्पाक लागुन पुरायपणान विस्थापीत जातलो.	6 न्हंयांचे ड्रेजींग हे आमच्या ह्या आधुनीकीकरण प्रकल्पाच्या व्याप्तीत ना. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो

	मुरगांव बंदरावेले प्रस्तावीत ड्रेजींग मुरगांव हार्बर आनी वास्को खाडी, चिखली आनी सांकवाळे सारख्या सरभोवतणच्या वाठारातल्या नुस्तेमारीचो पुरायपणान विध्वंस जातलो. रस्ते जाळे, कार्यशाळा आनी CFs सुविधांक लागुन बायणांतले नुस्तेमार पुरायपणान विस्थापीत जावपाचो प्रस्ताव आसा. गोंयातल्या अंतर्गत भागात कोळसो हाताळणी व्हरपाक, न्हंयो, जमनी आनी गोंयातल्या अंतर्गत वाठारातल्या गांवांत विध्वंस पातळोवच्या खातीर, 6 न्हंयाचे राष्ट्रीयकरण आनी ड्रेजींग करतात. ह्यो विध्वंसक येवजणों गोंयच्या नुस्तेमारी उद्देगाची पुरायपणान वाट लायतल्यो, वेगळ्या सागरी जीवीताच्या जैववीवीधतायेचो विध्वंस करतल्यो आनी गोंय राज्याच्या सामाजिक अर्थीक वाठाराक हानी करतल्यो.	पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. तशेच उपकार करुन 85(i.a) क आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
vi.	नुस्तेमार समुदायाचे विस्थापन: गोंयातलो नुस्तेकार समुदायाक, नुस्त्याच्या साठ्याचे लुकसाण, आनी शारीकरणाची वाड, पर्यटन उद्देग आनी मायनींग सारख्या गोश्टींक लागुन तयार जाल्ल्या हेर ह्या सारख्या समस्यांनी ह्या आदीच रॅंवाडो घाला, जाका लागुन नुस्तेमारीचो, नुस्तेमारी साधनसुविधा आनी नर्सरींचो विध्वंस आनी प्रदूशण जाला. कोळश्याच्या आयातीतली प्रस्तावीत वाड, ड्रेजींग आनी आवश्यक साधनसुविधांक लागुन गोंयातल्या नुस्तेमार समुदायाचे पुरायपणान विस्थापन जातले. प्रकल्पाचो आवश्यक भाग, ड्रेजींगाक लागुन आनी ह्या आदीच सुरु जाल्ल्या रस्तो बांधकामाक लागुन थेट मार बशिल्ले खारीवाडो, बायणा आनी देस्तेरोतल्या नुस्तेमार समुदायाचे जावपी विस्थापन आनी हानी हाचे प्रमाण दिवपाचो यत्न ईआयए अधिसुचोवणेत करुंक ना. बायणा, देस्तेरो आनी खारीवाड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाच्या विस्थापनाची नोंद करुंक EIA अभ्यासात अपेस आयला.	ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना.
vii.	कोळसो धुल्लाचे प्रदुशण: वास्को शार, मुरगांव, दाबोळी, चिखली, सांकवाळे, कुड्ाळी आनी दोना पावला मेरेन झुवारी न्हंयेचो उत्तरे कडलो किनारो ह्या आदीच गंभीर कोळसो प्रदुशणाचो त्रास सोसता आनी हे सत GSPCB न जारी केल्ल्या जायत्या कारणां दाखय नोटीस आनी काम थांबय आदेशा वेल्यान मान्य जाता. जायत्यो नोटीसी आनी आदेश जारी करुनय MPT, अदानी, SWPL हांका प्रदूशण आडावप जमले ना. कोळसो आयातीतली प्रस्तावीत वाड ह्या सगल्या अती प्रदुशीत वाठारा खातीर भलायकी आनी पर्यावरणीय आपत्ती थारतली. थळाव्या लोकसंख्येच्या भलायकेचेर आनी पर्यावरणाचेर जावपी परिणाम खबर आसूनय अशे तरेच्या अती प्रदूशीत वाठारात, कोळसो हाताळणी वाडुंक जायना. सद्याच्या कोळसो हाताळणी सुविधांतल्यान जावपी वायु प्रदुशण आडावपाक कितल्याश्याच तेंपाचे अपेस आनी नाईलाजाचे सत PP न मुद्दाम जावन लिपयला. ईआयए अभ्यासात GSPCB न जारी केल्ल्यो नोटीसो, राहिवाश्यांनी कितलोसोच तेंप सोशील्ले धुल्लाचे	GSPCB न दिल्ल्या आदेशांचे योग्य आनी बेगोबेग पालन केल्ले आनी योग्य प्रक्रीयेक पाळो दिवन प्रकरणीचे निराकरण केल्ले. भारत सरकारान अधिसूचीत केल्ले वायु उत्सर्जन मानकांक (NAAQS, 2009) आमी पाळो दितात. क्षमताय वाड पांवड्यार, योग्य APCMs स्थापीत करुन आमी उत्सर्जन मानकांक पाळो दीतले. प्रस्तावीत उत्सर्जन नियंत्रण उपाय प्रकरण 4, परिणामांचे मुल्यांकन आनी शमन उपाय, विभाग 4.3.4, पान क्र. 4.14 चेर दिल्यात. प्रस्तावीत क्षमताय वाडीक लागुन वायु पर्यावरणाचेर उल्लेखनीय परिमाम जावपाची शक्यताय ना.

	प्रदूशण आनी ह्यो गंभीर समस्या सुटाव्यो करपाक PP क आयिल्ले अपेस ह्यो गोश्टी मतीत घेवपाक पुरायपणान अपेस आयला.	
viii.	रेल्वेक लागून लोकांचे विस्थापन; • कोळश्याच्या प्रस्तावीत आयातीच्या येरादारी खातीरच सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण प्रस्तावीत आसा. • सद्याचो रेल्वे रुळ गोंयातल्या उच्च लोकसंख्या आशिल्ल्या गांवातल्यान वता आनी थळाव्या समुदायाचे व्हडा प्रमाणात विस्थापन करुन रुळाचे दुपदरीकरण शक्य ना. • रेल्वे रुळा लागसरच्या थळाव्या लोकसंख्येवेलो भलायकी आनी आवाजाच्या प्रदुशणाचो परिणाम व्हडा प्रमाणात वाडतलो. • रेल्वे रुळा लागसरच्या शाश्वत अर्थवेवस्थेची हानी आनी पर्यावरणाचो विध्वंस तीतलोच भयानक आसतलो. • रेल्वे रुळाच्या दुपदरीकरणाक लागुन अस्तंत घाटाचो (WGs) विध्वंस आनी विखंडन हे WG तले वन्य जीवन आनी खासा करुन उत्तर गोंयातल्या वाठारा खातीर भंय आसा.	रेल्वे वरवी म्हालाचे स्थलांतर ही चालू आशिल्ली प्रक्रीया. क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण हाताळपाच्या प्रस्तावीत अतिरीक्त म्हालाक आस्पावन घेवपाक भारतीय रेल्वे वरवी, रेल्वे रुळाच्या विस्ताराची गरज ना, कारण सद्याची रेल्वे साधनसुवीधा अतिरीक्त म्हाल हाताळपाक फावो तीतली आसा
ix.	NH17B आनी NH 4A लागुन लोकांचे विस्थापन; • NH 17B आनी NH4A च्या वेगवेगळ्या विभागात सद्या चालु आशिल्ले काम हे फक्त अतिरीक्त कोळश्याच्या आयाती खातीर आसा, जें जनते कडल्यान लिपयला. • ही कामां पर्यावरणीय संवेदनशील, CRZ वाठार, मुखेल कृशी जमीन, जल भरणा आनी थळाव्या समुदायाचो विध्वंस करतली. • NH 4A च्या विभागाचो विस्तार, महावीर राष्ट्रीय उद्यान/WLS कडेन WGs दुभाजीत करता हो ह्या कामांचोच भाग आसा. ही रानां आनी व्हडल्या दैंवणशे मदल्यान रस्त्यांचो विस्तार पर्यावरणीय आपत्ती थारतली. • प्रकल्पाच्या परिणामाचीं चूकीची म्हायती दिवच्या खातीर प्रस्तावीत कोळसो आयातींतल्या वाडी खातीरच्या रस्तो विस्ताराची म्हायती जाणून बुजून लिपयल्या.	सद्या आनी फुडारातय म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जावची ना. ह्या आधुनीकीकरणाच्या प्रस्तावाक लागुन SWPL न खंयच्याय रस्तो विस्ताराचो प्रस्ताव दवरुंक ना.
x.	ईआयए अधिसुचोवणी 2006 खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना: • PP न ह्या आदीच ड्रेजींगाच्या कामांचो कांय भाग पुराय केला, देस्तेरो, बायणा आनी खारीवाड्यावेल्या शंभरेक नुस्तेमार कुटुंबाचे विस्थापन, बायणा किना-यावेल्या रैंवेच्या ढिगा-यांचो विध्वंस आनी MPT गेट 9 वेल्यान NH 17B खातीर उड्डाण पुलाच्या बांधकामा खातीर (जें NH4A क बेळगांवा जोडता) झीज प्रवण देस्तेरो दोंगुल्ली भरप, NH 17B च्या मीसींग लींका खातीर लोटलींतल्यो खाजन जमनी भरप आनी खांडेपारा NH4A च्या विभागात दोंगुल्लेची कापणी आनी झाडां तोडप आदी. ही सगली कामां कोळसो विस्तारा खातीर आसात आनी काम सुरु करच्या आदी हाचो अभ्यास करुंक जाय आशिल्लो. • राज्य सरकार, MPT आनी केंद्र सरकारान मुद्दाम हे सत लोकांकडल्यान लिपयला आनी ईओए	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटों म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना.

	अधिसुचोवणे खाला दिल्ल्या प्रमाण पुराय प्रकल्पा खातीर ईआयए अभ्यास करीनास्तना हे काम फुडे व्हेला. • ईआयए अधिसुचवणे खाला कार्योत्तर मान्यताय घेवपाची तजवीज ना म्हणुन, हो प्रस्ताव न्हयकारुंक जाय आनी जमीन आनी न्हंयांचो तळ परत आशिल्लो तसो करुंक जाय	
xi.	हवामान बदल, ग्लॉबल वॉर्मींग: • भारताची संसारीक समुदाया कडेन बांधीलकी, जी ताच्या INDC त घोशीत केल्ली, त्या प्रमाण जीवाश्म इंधनाच्या वापरात 2030 मेरेन 40% उणाव हाडुंक जाय. कोळसो साधनसुविधेत वाड ही भारताच्या जीवाश्म इंधन उणो करपाच्या बांधीलकेत फुडे वचपी वाट न्हय. • NASA आनी हेर संशोधनात्मक संस्थांच्या संकेतस्थळार प्रदर्शीत केलां त्या प्रमाण संसारीक सरासरी तापमान वाडीचो दर भयानक आसा आनी आमी बेगोबेग काळसो साधनसुविधा उणी करपाक जांय. कोळश्याच्या वापराच्या वाडी खातीर हो आसा, मात हवामान बदल वा ग्लॉबल वॉर्मींगा वीशी ईआयए अहवालात उल्लेख ना, हांतुतल्या अशे दिसुन येता की प्रकल्पाचे अती महत्वाचे पैलू मुद्दाम लिपयल्यात.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो बंदर टर्मीनलाचेर कोळसो हाताळणी खातीर आसा. आधुनीकीकरण आनी सद्याच्या क्षमतायेचो बरो वापर करच्या खातीर प्रस्तावीत ब-या कार्यक्षमतायेचो परिणाम म्हळ्यार क्षमतायेत वाड. संसारीक हवामान बदल मुद्दयाचेर उपाय करप हे ईआयए व्याप्तीच्या भायर आसा.
xii.	एकठाय परिणाम मतीत घेवपाक अपेस: • झुवारी न्हंय आनी तीचे मुख, मुरगांव आनी सांकवाळे खाडीतले आनी चिखलीतले किनारी उदक प्रदुशणाक लागुन आनी मनश्याचो वावर जशे की मायनींग, बंदरावेलो वावर, जहाज आनी बार्जींची बांधणी आनी दुरुस्ती, लोकवस्ती, शारीकरण, पर्यटन आनी उद्देग हाका लागुन परिणाम जाला. ईआयए अहवालात हया वावराचो आनी तांच्या एकठाय परिणामाचो कसलोच उल्लेख ना.. • ईआयए अभ्यासात हया वाठाराच्या किना-याची व्हडा प्रमाणातली झीज मतीत घेतली ना. सल्लागारांच्या मर्यादीत दृश्टीकोनाक लागुन चुकील्ले कांय महत्वाचे मुद्दे आसात; g. मायनींगाची परतुन सुरवात - माननीय उच्च न्यायालयान गोंयात नव्यान लोह खनीजाच्या खणकामाक परवानगी दिल्या. व्हडा प्रमाणांत खणकाम सुरु जाल्ल्यान समुद्र आनी न्हंयाचे व्हडा प्रमाणात प्रदुशण जातले आनी नुस्तेनारी, सागरी जिवीत आनी मार बशिल्ले नुस्तेकार हांचेर व्हडा प्रमाणात परिणाम जातलो. h. पर्यटन- पर्याटन हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेचो कणो आसा आनी हरीत आनी नितळ प्रतीमेक लागुन पर्यटक भेट दितात. कोळसो हाताळणीत वाड केल्यार डॉल्फीन्स पळोवप, कोरल रीफ डायवींग आदी, तशेच दर्या देंगो, वास्को शार आनी विमानतळ वाठाराचेर जाल्ल्या परिणामांक लागुनय गोंयच्या पर्यटन संकल्पनेत भरपुर उणाव येतलो. i. नुस्तेमारी- मानवनिर्मीत वावराक लागुन गोंयची नुस्तेमारी नुस्त्याच्या साठ्याच्या उणावाची खर हानी सोसता. ते उणावाच्या गंभीर पांवड्यार पावला. ईआयए अहवालात गोंयची नुस्तेमारीची भलायकी मतीत घेना.	EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. आधारभूत पर्यावरणीय देखरेख MPT वाठारातल्या हेर सद्याच्या उद्देग /ऑपरेशन्सातल्यान जावपी प्रदूशण मतीत घेता. मापदंडाची देखरेख सुवातों अशे तरेन वेंचल्यात की ते वाठारातल्या वेगवेगळ्या स्त्रोतांकडल्यान जावपी प्रदूशणय दाखोवन दीता. वेगवेगळ्या पर्यावरणीय मापदंडाच्या नमुनो सुवातांचो तपशील पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, प्रकरण 3 हांगा दिला. ईआयए अहवाल आनी तांचे वैधानीक सादरीकरणात स्पश्टपणान नमुद केलां की प्रस्ताव हो पुरायपणान बंदर बॅकअप/जमनीच्या वटेन सद्याच्या ऑपरेशन्साच्या आधुनिकीकरणाचो आसा. धक्को /समुद्री वटेन बदल करपाचो प्रस्ताव ना. निरीक्षण समा ना. प्रकल्प वाठाराचो किनारीरेशा दर्जो प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.14, पान क्र. 3-16 दिलां. a. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. b. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. c. ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, कोश्टक 3.14, पान क्र. 3-75

	j. किनारी झीज - गोंयच्यो रेंवाळ दर्यादेगो खर झीज सोसतात आनी ताचो दस्ताऐवज तयार केला. ड्रेजींग आनी व्हडा प्रमाणातलो वावर आनी जहाजांचो आकार झीज आनीक वाडयतले आनी अभ्यासात हे सत मतीत घेतले ना. k. रियल इस्टेट आनी शारीकरण - शारीकरण आनी रियल इस्टेटीक लागुन न्हंयो, समुद्र आनी जमनी सयत अभ्यास क्षेत्रात गंभीर परिणाम जाल्यात, जाका लागुनसागरी आनी जमनीच्या पर्यावरणाचेर तशेच अर्थवेवस्था आनी गोंयच्या समाजाचेर खर प्रदूशण, झीज, गाळ साचप आनी हेर न्हयकारी परिणाम जातात. ईआयए अहवालात हया परिणामांचो संदर्भ ना. l. गोंयची वहन क्षमताय - गोंयची ल्हान जमीन आनी उदका मार्ग पारंपारीक रितीन वापरतात आनी ताका लागुन शाश्वत अर्थीक आनी सामाजिक उदरगत जाल्या. आयज तीच जमीन आनी उदक खाजगी लावाखातीर जशे की जशे की अदानी आनी JSW, 5 तारांकीत हॉटेलां, क्रुज जहाज पर्याटन, कसीनो, मरीना, उद्देगीक वाड, शीक्षणीक आनी वैजकीय संस्था, रीयल इस्टेट, मायनींग आनी साधनसुवीधा प्रकल्पां हांच्या खातीर वळयला, जाका लागुन गंभीर संघर्श जाल्यात. हे आवश्यक आसा की, गोंयचो सद्याचो अर्थीक वावर आनी तांचो एकठाय परिणाम मतीत घेवन राज्याची वहन क्षमताय आदी पळोवची.	हांगा दिल्ले म्हायतीत 2011ते 2015 काळांत सागरी नुस्ते उत्पादनात वाड जाल्ल्याचे दाखयता. (स्त्रोत- नुस्तेमारी संचालनालय, गोंय सरकार). d. आधुनिकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाडीचो भाग म्हण ड्रेजींगाचो प्रस्ताव ना. e. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना. f. टिप्पणी PP कडेन संबंधीत ना.
xiii.	अपुरो आनी उथळ ईआयए अभ्यास: प्रकल्पा खातीर केल्लो ईआयए अभ्यास सकयल दिला त्या प्रमाण पुरायपणान दोशपुर्ण, अपुरो आनी ईआयए अधिसूचोवणेचे पुर्ण उल्लंघन करता; a. फॉर्म I त सत पुरायपणान लिपयला: • फॉर्म I ची प्रत उपलब्ध ना. PP न फटीचे फॉर्म I सादर केला. प्रकल्पात बंदर आनी प्रवेश कालव्याचे ड्रेजींग, कोळसो हाताळणीत वाड आनी ताचो परिणाम म्हण प्रदूशण, सावथ वेस्टर्न रेल्वेचे दुपदरीकरण आनी NH 17B आनी 4A चे बेळगाव मेरेन चार पदरीकरण हे सत तांतुत लिपयील्ल्यान ते अपुरे आसा. • अभ्शास क्षेत्रातल्या असंख्य अनुसुचीत I प्रजाती आनी प्रवाळी आनी गोंयच्या पारंपारीक नुस्तेमारी खाडीचे सामाजिक-अर्थीक महत्व फॉर्म I त सुचीत करुंक जाय आशिल्ले . b. तीनूय अभ्यास वयले वयले आसात आनी अहवालात डेटा कॉपी पेस्ट केला.: तीनय अभ्यास एकाच वेळार एकच सल्लागार WAPCOS हांणी केलां. तीनय अभ्यासात पुराय वळख आनी कांय भाग कॉपी पेस्ट केला. ईआयए अभ्यासात अभ्यास क्षेत्राच्या सामाजिक -अर्थीक आनी पर्यावरणीय वास्तवाकडेन आडनदर केल्या. c. अपुरो आनी अपुर्ण ToR: ToR लेगीत उपलब्ध ना, मात सहाजीकच तो पुरायपणान अपुरो आसा कारण न्हंयाचे ड्रेजींग, येरादारी साधनसुविधा, वाडिल्ले कोळसो हाताळणी ऑपरेशन्स आनी ताचो परिणाम म्हण लोक आनी पर्यावरणाचेर पडपी प्रभाव हे प्रकल्पाचे भाग मतीत घेवपाचे निर्देश सल्लागाराक दिंवक ना. कोरल रीफ, अनुसूची I तल्यो प्रजाती आनी नुस्तेमार समुदायाचो उल्लेख	निरीक्षण समा ना. ईआयए अधिसुचोवणी, 2006 (दुरुस्ती)त दिल्ले प्रक्रिये प्रमाण ईआयए करचे खातीर SWPL न संदर्भ अटी (ToR) योग्य रितीन MoEFCC, नवी दिल्ली कडल्यान मेळयल्यात. EIA/EMP अहवाल MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ल्या ToR प्रमाण तयार केला. a. भोवशीक सल्लोमसलती खातीर प्रसारीत केल्ल्या ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो फॉर्म I भाग आशिल्लो. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्ल्या सद्याच्या बंदर टर्मीनलाचे हे आधुनिकीकरण. प्रकल्पात अतिरीक्त भुंय संपादन, रेल्वे साधनसुविधेत वाड, खंयच्या जल/सागरी वटेनचे बदल वा मुखेल नागरी बांधकामाचो आस्पाव ना. आरोप केल्ले प्रमाण, प्रकल्पाच्या वावरात कसलेय सत वा म्हायती EAC, MoEFCC वा हेर खंयच्याय वैधानीक यंत्रणेकडल्यान लिपोवपाचो यत्न करुंक ना. प्रकल्पाच्या अंदाजे केंद्राकडल्यान 10 किमी परिघाच्या परिणाम शीमेतल्या संवेदनशील घटकांची तपशिलवार वळेरी EAC, MoEFCC आनी हेर वैधानीक यंत्रणांच्या योग्य अवलोकना खातीर निमाण्या ईआयए अहवालात आस्पावीत करतले.

	करपाक आयिल्ले अपेस हाका लागुन ToR अदीक असंबद्ध आनी अपुरो जाता. d. साहित्याक अभ्यास आनी दुय्यम डेटाचो संदर्भ घेवपाक आयिल्ले अपेस: ईआयए सल्लागारांक भोवशीक क्षेत्रात उपलब्ध आशिल्ले दस्ताऐवज आनी WWF, NIO आदींनी अभ्यास क्षेत्रातल्या समृद्ध वनस्पत आनी प्राणी जैववीवीधतायेचेर (डॉल्फीन्स, व्हेल, समृद्ध कोरल रीफ आनी अनुसूची I तली स्थळाच्या मूळाची वनस्पत आनी प्राणी) केल्ल्या अभ्यासाचो संदर्भ घेवपाक अपेस आयला. अभ्यास क्षेत्रातली व्हडा प्रमाणातली पारंपारीक नुस्तेमारी आनी समृद्ध नुस्तेमारी आनी तांचे अर्थीक महत्व. वास्कोतल्या थळाव्यांक तोंड दिवचे पडता ती जुनाट कोळसो प्रदुशणाची समस्या आनी GSPCB कडल्यान जायत्यो नोटीशी मेळुनय ह्यो समस्या सुटाव्यो करपाक कंपनीक आयिल्ले अपेस. e. मुळावो अभ्यास करुंक आयिल्ले अपेस: अभ्यास क्षेत्राच्या 10 किमी परिघातल्या पर्यावरणीय आनी सामाजीक अर्थीक विशयाचेर कसलोच मुळावो अभ्यास करुंक ईआयए सल्लागारांक अपेस आयला. कोळसो प्रदुशणाचो मुद्दो अधोरेखीत केल्ल्यान रहीवाश्यांक तोंड दिवचे पडतात त्या वायु प्रदुशणा कडेन संबंधीत भलायकेच्या मुद्दयाचेर प्रस्तावकान तपशीलवार अभ्यास करपाची गरज आसा. f. पुरायपणान चूकीचो आधारभूत डेटा: अर्थपूर्ण आधारभूत डेटा नाशिल्ल्यान ईआयए अभ्यास फटीचो आनी असंबद्ध जाता. देखीक, अभ्यास क्षेत्रात डॉल्फीन, व्हेल, कोरल रीफ, नर्सरी आदी ना अशे म्हणून, अभ्यास क्षेत्राच्या जैवविवीधताये कडेन ईआयए अभ्यासात पुरायपणान आडनदर केल्या. अभ्यास क्षेत्रात रावपी नुस्तेमार आनी तांचेर निंबून आशिल्ल्यांचो आकडो जो दिला ताचे परस खुप अदीक आसा. ड्रेजींग आनी कोळसो हाताळणीक लागुन जावपी नुस्तेमा-यांच्या अर्थीक आनी सामाजीक विस्थापनाचे प्रमाण दिवपाचो यत्न करुंक ना. g. ईआयए अहवालात निराधार वक्तव्यां: ईआयए अहवालात संदर्भ दीयनास्तना वक्तव्यां केल्यात. h. गंभीर विध्वंसक परिणाम मुद्दाम लीपयल्यात: सल्लागारान अभ्यास क्षेत्राच्या पर्यावरणीय, अर्थीक आनी सामाजाचे प्रत्यक्ष स्वरुप फटींग दिला आनी लिपयला. पर्यावरण आनी सामाजिक -अर्थवेवस्थेचेर परिणाम खुप कमी जातलो अशे फटींग चित्र निर्माण करच्या खातीर आधारभूत डेटात फटींगपणा करप. i. अपुरे तज्ञ आनी अभ्यास: कोळसो आयातीतली वाड, रेंव न्हयेचे ड्रेजींग हाका लागुन लाखांनी रहीवाश्यांचेर गंभीर परिणाम जातले, कारण ताच्या परिणामांचो ह्या आदीच अणभव घेतला. मात, सद्याच्यो भलायकेच्यो समस्या आनी ताची संभाव्य वाड हाचेर अभ्यास करुंक ना. ड्रेजींग, जहाजांचो वाडील्लो आकडो आनी आकार आनी कोळसो हाताळणीचो सागरी जिवीत, जैवविवीधताय, नुस्तेमारी आनी नुस्तेकारांची उपजिवीका हांचेर परिणाम ह्या वीशी योग्य अभ्यास करुंक ना. j. सुधारणा मतीत घेंवक ना: ईआयए अहवालात पॅरा 3.7 त म्हळां, "आवश्यक बॅकअप वाठाराची गरज पुराय करुंक हॅडलॅड दॅवती आनी प्रवेश कालव्या मदल्या जमनीची सुधारणा करुंक जाय." मात, ही	पर्यावरणीय घटकांचो तपशील ईआयए अभ्या उपरांत सादर करुंक शकतात. b. आमचो प्रकल्प हो MPT न प्रस्तावीत केल्ल्या हेर दोन प्रकल्पांच्या परिणाम वाठाराचो भाग आसा (जशे की, 1. कॅपीटल ड्रेजींग आनी 2. धक्को 8 आनी 9 आनी बार्ज धक्क्याची सुधारणा), हे खुप तर्कशुद्ध आसा की ईआयए अहवालातले कांय घटक समान आसतले. M/s WAPCOS लि., भारत सरकार हांका ईआयए अधुसुचोवणी, 2006 (दुरुस्त) वा हेर खंयचेय परिपत्रक/ OMs /नोटीसी वा MoEFCC ची हेर कळोवणी वा हेर खंयच्याय वैधनीक मंडळाच्या चौकटे खाला खंयचेय सुवातेर प्रकल्प घेवपाक निर्बंध ना. ToR हो भोवशीक सल्लोमसलती खातीर फीरयील्ल्या ईआयए अहवालाच्या मसुद्याचो वाटो आशिल्लो. न्हंयांचे ड्रेजींग हे अधुनीकीकरणाचो भाग ना. c. वेगवेगळ्या सरकारी संघटनां कडल्यान प्रकल्प वाठारा खातीर संबंधीत साहित्यीक सर्वेक्षण आनी दुय्यम डेटा एकठाय करपाचो वावर केला आनी ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात नोंद केला. q. मुळावो आधारभूत अभ्यास सरभोवतणची हवा, आवाज, उदक (भूजल, पृश्ठभाग - समुद्री उदका सयत), माती (सागरी गाळा सयत), सागरी आनी जमनीच्या पर्यावरणीय आनी जैवीक मापदंड, खातीर केला आनी ताचे तपशील प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्ज्यात दिल्यात. प्रकल्पाच्या वाठाराची जवसंख्यांकी रुपरेशा जनगणना अहवाल, 2011 चेर आधारीत आसा. ह्या प्रकरणात दिल्ली म्हायती मुखेलपणान मुळावो जनगणना गोशावरा 2011 तल्यान घेतल्या. सामाजिक -अर्थीक अभ्यासा खातीर मुळावो आधारभूत डेटा एकठाय करुंक ना कारण प्रस्तावीत प्रकल्पाचो थळाव्या रहिवाशींचेर कसलोच प्रत्यक्ष आनी उल्लेखनीय न्हयकारी परिणाम जायना, कारण क्षमताय वाड प्रकल्पात भुंय संपादनाचो प्रस्ताव ना. आमच्या क्षमताय वाड प्रकल्पाचो वाटो म्हण ड्रेजींग करपाचो प्रस्ताव ना. d. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्दयाक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. e. साबार दुय्यम डेटा स्त्रोतांचेर आधारुन ईआयए तयार केला, जांका ईआयए अहवालाच्या

	म्हायती फॉर्म I त दिसुंक ना आनी अहवालात मतीत घेवक ना. k. तयार केल्ले परिक्षण परिणाम: 3.10 त वायु परिक्षण निकाल पुरायपणान तयार केल्ले आसात, जे नोंद केल्ल्या उण्या रीडींगा वेल्यान दिसता, जे समस्ये बगरच्या शारातय अशक्य आसात. सगल्यो PM10 नोंदी फटीच्यो आसात आनी वास्कोत प्रदुशण ना हे दाखोवपाचो यत्न करतात. l. मनमानीपणान हेत सांगला, विचारात लेगीत घेवुंक ना: EMP कडेन संबंधीत प्रकरण 5.1 त म्हळां "ईआयए अभ्यासात EMP चे महत्व म्हळ्यार पर्यावरणावेलो ताण/भार हो वहन क्षमताये भीतर आशिल्ल्याची खात्री करप. मात पर्यावरणाची वाहन क्षमताय आनी पर्यावरणावेलो ताण हाचे प्रमाण दिंवक ना. m. पर्याय: प्रस्तावीत प्रकल्पाक खंयचोय पर्याय विचारात घेवपाचो यत्न सल्लागारांनी करुंक ना. पर्यावरणीय आनी सामाजिक-अर्थीक विद्वंस मतीत घेयनास्तना गोंया वरवी कोळसो आयात वाडोवपाचो पयलीच विचार केल्लो निर्णय हांतुत दिसता. आयात केल्ल्या कोळश्या परस देशी कोळसो वापरपाचो विचार मतीत घेवपाक अपेस. n. खर्च आड लाव: खर्च आड लाव हाचेर अभ्यास करुंक ना. आधारभूत डेटा वा खर्च आनी प्रकल्पाचे लाव हांचे प्रमाण थारावपाचो यत्न करुंक ना.	वेगवेगळ्या प्रकरणात योग्य श्रेय दिलां. f. उपकार करुन वयर दिल्ल्या मुद्दयाक आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. g. आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो ड्रेजींग भाग ना. h. समुद्री वाठाराचो विस्तार हो आधुनीकीकरण प्रकल्पाचो भाग ना, म्हणुन समुद्रात सुधारणा हया प्रकल्पाचो भाग ना. i. निरीक्षण समा ना. j. प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आराखडो, विभाग 5., पान क्र. 5-1 त केल्ले वक्तव्य हे प्रकल्प वावराकडले न्हयकारी परिणाम ताब्यात दवरपा खातीर /सुधारपा खातीर योग्य आनी अनुरुप EMPs घालुन दिवपाच्या आधाराच्या संदर्भात केल्ले. सद्याचे ऑपरेशन्स वा प्रस्तावीत क्षमताय वाडीच्या बाबतीत खंयचेय पर्यावरणीय मापदंड तांच्या वहन क्षमताये मेरेन पाविल्ल्याचे ईआयए अहवालात दाखयना. k. 2004 वर्सा सावन कार्यरत आशिल्या. टर्मीनल सुवीधेचे हे आधुनीकीकरण. म्हणुन पर्यायांचो अभ्यास करपाची गरज ना. l. ईआयए अधिसुचोवणी 2006 (दुरुस्त), परिशिश्ट III, Sr. 9 प्रमाण MoEFCC न जारी केल्याधि अतिरीक्त ToR चो भाग म्हण आस्पावीत केल्यारुच खर्चाच्याचो लावाचे मुल्यांकन करप गरजेचे आसा.
xix.	स्थीरताय आनी जतनायेची तत्वां मतीत घेवक ना: ईआयएत खंयच 'स्थीरताय' वा जतनायेचे तत्व' हे शब्द नमुद करुंक ना. आमी ईआयए अभ्यास न्हयकारतात, कारण तो पुरायपणान फटीचे आनी ईआयए अधिसुचोवणेचे उल्लंघन करतात. आमी हया प्रकल्पाक विरोध करतात कारण तो गोंयचे नुस्तेमार, वास्को द गामा, मुरगावचे रहिवाशी आनी मार बशील्ले हेर नागरीक, गोंयच्या हेर वाठारातले रहिवाशी आनी गोंयांतल्या समुद्री आनी न्हंयातल्या सागरी जीवीताच्या हीताच्या आड आसाच, सांगात राष्ट्रीय आनी संसारीक हिताच्या आड आसा	प्रस्न विचारुंक ना म्हणुन जांप दिंवक ना.
93. अविनाश तावारीस, फातोर्डा, मडगांव		
i.	अपु-यो परिक्षण सुवातों	प्रकल्पाची सुवात सडा हेडलँडाच्या उत्तरेवटेन तोंडार खाशेले सुवातेर आनी समुद्रान वेडिल्ली (उत्तर

	ईआयए अहवाल दोशपुर्ण आसा कारण, फक्त 4 किमी परस उण्या ल्हान वाठारात अभ्यास केला आनी पुराय 10 किमी वाठारात न्हय.	आनी दक्षीणेक). वायु प्रदुशणाचे संभाव्य स्रोत हे बंदराच्या टर्मीनल वावरा कडल्यान, क्षणीक तयार जावपी कण आसा, जे सुवातेर अंमलबजावणी केल्ल्या प्रदुशण उपायान व्हडा प्रमाणात नियंत्रीत जाता. फुडे, हे खुप उणे उत्सर्जन, आसले जाल्यार, सामान्य हवामान परिस्थीतीत व्हडा अंतराचेर वचपाची शक्यताय ना. त्याप्रमाण, उण्या तीव्रतायेचे प्रदूशण, आसले जाल्यार, हवा प्रदुशण फाफसोवच्या आदी धरपाक AAQ आधारभूत स्थानकां, 5 किमी परिघा भीतर वा प्रकल्प सुवातेच्या लागसर स्थीत आसात.
ii.	सरभोवतणच्या हवेचो दर्जो गरमेच्या दिसांनी मेजला आनी वा-याची म्हायती ना: गरमेच्या म्हयन्यांत हवा विखारी उत्सर्जना वांगडा वयर वता. उत्सर्जनाची मेजणी करपाचो सारखो वेळ म्हळ्यार शींयाचे दिस जेन्ना किमान वा-या वांगडा थंड हवा जमनीच्या पातळीत आसता. धुके आनी हवेतल्या प्रदुशणाक लागुन हया वेळार लोक दुर्येत जातात. वा-याच्या दिशेचो अभ्यास मुद्दाम करुंक ना आनी तो ईआयए अहवालात ना. WAPCOS हांणी मुद्दाम हे म्हयने वेंचल्यात आनी शक्य तीतल्यो उण्यो नोंदी एकठाय करच्या खातीर वा-याच्या नमुन्याचेर अभ्यास करुंक ना.	ईआयए अभ्यास पर्यावरण, रानां आनी हवामान बदल मंत्रालयान (MoEFCC) जारी केल्ल्या ToR प्रमाण केला.
iii.	दिशाभूल करपी सरभोवतणची मार्गदर्शक तत्वां: (ईआयए अहवालाचे कोश्ठक 3.1) सरासरी नोंदीची तुळा भारतीय मानकाच्या दिसपट्टया मर्यादे कडेन केल्या आनी सरभोवतणच्या हवेच्या भारतीय मानकाच्या वर्सुकी सरासरी कडेन करुंक ना. कोश्टक 3.1 तल्या कण आनी NO2 च्या नोंदी प्रमाण ते वर्सुकी सरासरी सरभोवतणच्या हवा दर्ज्या परस अदीक आसात. हाचे वेल्यान दिसुन येता की WAPCOS न 24 वरांच्या मान्यताय प्राप्त मर्यादे कडेन तुळा करुन डेटाचो चुकीचो अर्थ लावपाचो यत्न केला.	अभ्यास तीन म्हयन्याच्या काळा खातीर आशील्लो, म्हणुन NAAQS वर्सुकी मीन वांगडा तुळा करुंक ना, जे मानक प्रथे प्रमाण आसा.
iv.	WAPCOS दावो करता की उच्च आर्द्रता आशिल्ल्या कोळश्याची आयात केल्ल्यान धुल्लाचे प्रदुशण उणे आसतले. हे फट आसा कारण, ते सवाय आशिल्लो तो उच्च राख आनी उण्या आर्द्रतेचो कोळश्याचो कच्चो म्हाल हाडतात (ईआयए अहवालाचे पान 4.16 आनी 5.6) अश्या प्रकराच्या कोळश्याच्या हाताळणीक लागुन धुल्लाचे प्रदुशण जाता.	वक्तव्य चुकीच्या पद्धतीन सांगला. ईआयए अहवालात केल्ल्या वक्तव्या वांगडा आमी आसात.
v.	प्रस्तावीत प्रकल्पाचो जल पर्यावरणावेलो परिणाम ईआयए अभ्यासात नमुद करुंक ना. देखीक, ईआयए अहवालातले शीश्याचे प्रमाण दाखयता की बंदरातले उदक समुद्रातल्या उदकाच्या पातळी परस 260% उच्च आसा. उदकातल्या अवजड धातु दूशीतकरणाचो सुरक्षीत मापदंड अहवालात दिवक ना.	अहवालात उदका पर्यावरण मतीत घेतला आनी MoEF न जारी केल्ल्या ToR त दिल्ल्या मापदंडा प्रमाण आसा. SWPL चे उदका वटेनच्या वावराचेर आनी अवजड धातूंचेर, नियंत्रणात नाशिल्ल्यान, ते आसले जाल्यार बंदर सुरु जाल्ल्या काळा सावन हाताळील्ल्या सगल्या म्हालाचे एकठाय आसतले, हाची जाप दिवपाचे स्थीतीत SWPL आसचे ना.
vi.	मातयेचे परिक्षण फक्त बंदराच्या वाठारा भोवतणी केलां आनी 10 किमी परिघाच्या प्रभावीत वाठारात करुंक ना. पारो आनी आर्सेनीक सारख्या अवजड धातुंच्या हाजेरे खातीर मातयेचे परिक्षण करुंक ना.	प्रस्तावीत प्रकल्पातल्या वावराचे स्वरुप सद्याच्या चालू प्रक्रिये सारखे आसा, आनी हाताळणीच्या कार्यक्षमतायेच्या वाडी बगर वावरात हेर कसलोच बदल प्रस्तावीत ना, जाचो परिणाम म्हण वर्सुकी उलाढालीत वाड जातली. म्हणुन, प्रक्रियेत बदल नाशिल्ल्यान, हाचो वाठाराच्या मातयेचेर कलसोच परिणाम जावपाची शक्यताय ना. मातयेच्या दर्ज्याची आदारभूत रेशा स्थापीत करच्या खातीर मातयेचे परिक्षण केला.
vii.	a. प्रस्तावीत प्रकल्प कार्यान्वीत जाल्या उपरांत तयार जावपी कोळश्याच्या धुल्लाच्या परिणामाचे	उपकार करुन 1(iii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात

	मुल्यमापन करुंक ना.	
	b. अकार्यक्षम उदकाची फवारणी P10 आनी P2.5 कणांचे नियंत्रण करतात.	क्षणीक उत्सर्जन उणे करच्या खातीर आधुनीक उपकरणांचो वापर करुन उदकाची फवारणी करतात.
	c. 10 मायक्रोन (PM10) परस उणे धाकले कण साबार दिस मेरेन हवेत रावपाक शकतात आनी वा-याक लागुन सरभोवतणी वा मुळ स्रोता कडल्यान पयसुल्ल्या अंतरा मेरेन फाफसोवपाक शकतात. बारीक कण (<2.5 मायक्रोन) वातावरणात कायम रावपाक शकतात. 5-10 किमी मजगती सेन्सर नाशिल्ल्यान आनी परिक्षणाचो काळ उणो आशिल्ल्यान, धुल्ल खुप अंतरामेरेन वचपाक शकना हाची खात्री दिवपाक ईआयए अहवालात अपेस आयला.	सरभोवतणच्या हवा दर्ज्याचे विश्लेशण NAAQS, 2009 च्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण केला.
viii.	ईआयए अहवाल म्हणता की स्थायीक टाकये कडल्यान तयार जाल्लो गाळ, जाका इंधनाचे मोल आसा, तो गांवका-या मदी वितरीत करुंक जाता. तो अशेय म्हणता की हो गाळ खुप धोकादायक आसा कारण तो आम्लधर्मी, विखारी आनी अवजण धातूंन भरिल्लो आसा. गाळाचे इंधन म्हणुन ज्वलन गावक-यांक आनी खासा करुन भुरग्यां खातीर खुप धोकादायक आसा. हातुतल्यान कोळश्याचो कोयर हाताळपाचो MPT चो निश्काळजी दृश्टीकोन दिसुन येता. कोळसो स्थायीक जावपाची टक्केवारी लेगीत प्रकल्प प्रस्तावकांन करुंक ना.	कोळश्याचेर फवारणी केल्ले उदक चडशे कोळश्यात शोशून घेतात आनी व्हांवप जवळजवळ ना. कोळश्याचे साठे सेगीत धापुन दवरतात; पावसाचे उदक कोळश्याच्या साठ्याच्या संपर्कात येना. हाका लागुन, व्हांवपी उदकाचे प्रमाण खुप उणे आसा. केन्ना केन्ना व्हांवपी उदक डंप तळ्यात व्हांवता जंय कोळश्याचे कण बसतात. तयार जाल्लो गाळ नेमान नितळ करतात आनी नेमाप्रमाण ताचे विलो लायतात. आमच्या सुवीधेत लगद्याच्या कुडक्यांचे वितरण करुंक ना. खंयच्या प्रकरणात ईआयएत फक्त दिल्ल्या सल्ल्याची नोंद करता आनी सक्तीच्या अंमलबजावणी खातीर न्हंय.
ix.	ऑस्ट्रेलीयेतल्या अबोट्ट पॉयंट कोळसो बंदराचेर हालीच जाल्ल्या आपत्ती सारखो जर उटंगराचो पावस पडलो जाल्यार आपत्ती वेवस्थापन आराखडो.	मान्सून काळा सयत म्हाल पुरायपणान वॉटरप्रुफ धांपण्या खाला आसता. साठयिल्ले परिस्थीतीत पावसाचे उदक म्हालाच्या संपर्कात येवपाची शक्यताय ना. म्हणून, म्हालातल्यान व्हंवपी म्हेळे उदक शक्य ना.
x.	आपत्ती वेवस्थापन आराखडो, जर बुडपी बोटी खातीर (जशे की मुंबय किना-या लागी बुडिल्ली अदानीची बोट) जाग्यार नासलो जाल्यार.	समुद्री उदकांतल्या वावराचे नियंत्रण MPT करता, कारण बंदराच्या संरक्षणाचो वावर तांच्या कडेन आसा. सुचालन, जहाजांची सुवात बदलप आनी हेर संबंधीत वावर SWPL च्या नियंत्रणात ना.
xi.	बंदराचेर वाडिल्ले ट्रक आनी ट्रेनींतल्यान जावपी वाडिल्ल्या उत्सर्जनाचो परिणाम ईआयएत मतीत घेवक ना.	प्रकल्पात सद्या म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जायना आनी प्रस्तावीत आधुनीकीकरण पांवड्यारय ताचो प्रस्ताव ना. लोडींग वावरा उपरांत, पुराय पणान दोरखंडान बंद करुन, इन मोशन वॅगोन यंत्रणा वापरुन ट्रेनीच्या म्हालाचे डबे बेगोबेग आनी आपचलीतपणान धांपतात, हाका लागुन कसलोच म्हाल भायर सरपाची शक्यताय नासता. हो शून्य आडवाद आनी शून्य चूक वावर, जो प्रकल्प प्रस्तावक पुराय कडकपणान न करतात.
xii.	त्या भायर बंदराचेर स्थीर जल वेवस्थापन मार्गदर्शक तत्वां जाग्यार ना आनी ईआयए अहवालातल्यो सुचोवण्यो (बलास्ट केल्ल्या उदकाचे डंपींग करपाक मान्यताय दिवचे ना) मुरगाव बंदर नेम 1966 वांगडा परस्पर विरोधी आसात, जांतुत म्हळा की ब्लास्ट उदक फक्त अश्या धक्क्यांचेर सोडप जंय पालवी संरक्षक निर्देश दितलो तशेच प्रकल्प प्रस्तावकान उत्सर्जन नियंत्रण पातळी पुरायपणान समजायली नासल्यार.	बलास्ट उदकाची मार्गदर्शक तत्वां, MPT जहाजांक कळयता आनी आमका खबर आसा त्या प्रमाण तांका खरपणान पाळो दितात.
xiii.	वास्को खाडी पर्यावरण संवेदनशील आशिल्ल्या कारणान, जो मेरेन क्षेत्र हे उत्सर्जन नियंत्रण वाठार म्हण जाहीर जायना वा सल्फराची पातळी, SOx, NOx आदी नियंत्रीत करुंक ईसीए ना तो मेरेन MPT न	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.

	बंदराचो विस्तार करुंक जायना.	
xiv.	JSW वा MPT न अशे बरोवन दिंवक ना की ते फुडारात CSR वावराची अंमलबजावणी करतले.	PH वेळार उतर दिल्ल्या CSR ची हयकारीपणान अंमलबजावणी जातली.
xv.	नुस्तेमारी वावरावेलो परिणाम मतीत घेंवक ना, कारण MPT न आपल्या विश्वस्थ मंडळाच्या 24 व्या बसकेच्या कार्यवाहीत, 08/09/2010 तारखेच्या 4 थे बसकेत, पान 33 पॅरा 7.21 हांगा MPT च्या अध्यक्षान म्हळा की, खारीवाडा जेटी एक ते देड वर्स मेरेन काडुन वडयतले. तांणी अशेय म्हणील्ले की आस्त आसा की झुवारीत नुस्तेमारी जलमार्ग नासतलो.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
xvi.	आपत्ती वेवस्थापन आराखड्यात, अमोनीया/ नाफ्ता टाकयांक लागुन आशिल्ल्या धोक्याची परिस्थीती दाखयना.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
xvii.	हाका लागुन WAPCOS न केल्लो जलद ईआयए अपुरो आसा कारण प्रकल्प वर्सभर कार्यान्वीत आसतलो. हे स्पश्ट आसा की प्रकल्प खुप धोकादायक आनी पर्यावरणीय नदरेन अव्यवहार्य आसा आनी म्हणुन तो रद्द करुंक जाय.	WAPCOS हे NABET चे मान्यतायप्राप्त सल्लागार, जांका वेगवेगळ्या प्रकल्पांचो अणभव आसा. ईआयए जतनाय घेवन ToR च्या चौकटीत केलां. .
xviii.	WAPCOS न तयार केल्ल्या ईआयए अहवालात तांणी नदरेक हाडल्यात त्यो जायत्यो विसंगती आसात (लेखी सादरीकरण पळयात). हे सुचोवप चूकीचे थारचे ना की, अहवाल पीपी कडेन पक्षपाती आसा, तांतुत कांय गोश्टी वगळपाचे आनी कांय कृती केल्ल्याचे पातक आसा ज्या सगल्यांक लागुन WAPCOS आड दक्षता चवकशी करपाची गरज आसा.	योग्य आनी प्रकल्प विशीश्ट स्कोपींग, MoEFCC न ईआयए खातीर जारी केल्ले अतिरीक्त ToR, वाठाराच्या विशीश्ट ईआयए मार्गदर्शक पुस्तीका आनी MoEFCC न प्रकाशीत केल्ले वाठाराचे विशीश्ट मानक ToRs हांचेर आदारुन ईआयए तयार केला.
94. सेबी मास्कारेन्हस, वास्को, गॉय		
i.	मुरगाव बंदरावेल्या धक्को 5 आनी 6 चेर कोळसो हाताळणी थांबोवची म्हण आमी खर विरोध करतात. वास्कोचे नागरीक कोळश्याच्या धुल्लाच्यो भलायकेच्या धेक्याचो समस्या सोसतात. संबंधीत अधीकारणीक विनंती करता की रस्त्याची, कोळसो हाताळणी सुवातेची पळोवणी करची आनी बंदराच्या शेजारच्या वाठारातल्या दुयेंत लोकांचे सर्वेक्षण करचे.	प्रतीसाद दिंवक ना.
95. गांधी हेन्रीक्स, वास्को		
i.	ही भोवशीक सुनावणी 2 सप्टेंबर 2016 दिसा NGT न दिल्ल्या आदेश/निर्णयाक लागुन आसा.	निरीक्षण समा ना.
ii.	PP "मुरगाव पत्तन न्यास" "A" विभाग प्रकल्पा खातीर ईसी मेळयली मात भोवशीक सुनावणी घेवुंक नाशील्ल्यान ही मान्यताय रद्द केल्ली.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
iii.	निमाण्या पांवड्यार जेन्ना NGT मुखार केस चालु आशिल्ली, आदेशाच्या पान 31 चेर तांणी म्हळा, MPT न प्रकल्पाचे 60 % काम पुराय केलां.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.

iv.	आयज PH त तेच 3 भागात 3 दिसांत फुडे वता जो गंभीर मुद्दो आसा कारण प्रकल्प एक आसा आनी EC एका खातीरच घेतील्ली. a. NGT क आदेशाच्या तारखेच्या आदी म्हायती दिल्ली की प्रकल्पाचे 60% टक्के पुराय जाला, हाका लागुन हाव जाणुन घेवपाक सोदता, आयज 60 % कामातलो कीतलो टक्के पांवडो पुराय जाला. b. खर्च कीतलो जाला आनी जर प्रकल्प न्हयकारलो जाल्यार आदल्या स्थीतीत हाडपाक खर्च कितलो जातलो.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
v.	PP न पान 17 चेर धक्को 5 आनी 6 19.8 मी आनी धक्को 7 16.5 मी खोल करपाचो प्रस्ताव दवरला अशे दिसता. MPT न लोकांक सांगपाक जाय की धक्को क्र. 7 खोल करपाचे रद्द केला कांय हया आदीच केलल्या 60% कामात हया आदीच पुराय केला. 15 दशलक्ष cum ड्रेज म्हालातले पुराय जाल्ले प्रमाण आनी ते डंप केला ती सुवात हया वीशी लोकांक स्पश्टीकरण दिवप गरजेचे आसा.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
vi.	कॅपीटल ड्रेजींग हे बंदराच्या म्हाल हाताळणी क्षमताये परस वेगळे मानतले कांय कीते हया युक्तीवादात NGT क योग्यताय दिशील्लो. a. प्रकल्प मतीत घेतना धक्को 5 आनी 6 खातीर ब्रेकप कीते आसतले. b. धक्को 5 आनी 6 चेर कीतल्या प्रमाणात म्हाल उपशीयला. धक्को 5 आनी 6 चेर वाडिल्ल्या उदकाचे प्रमाण कितले आनी धक्को 5 आनी 6 चेर म्हाल हाताळणी क्षमताय कितली वाडल्या. c. क्षमताय वाडीक नाराजी उक्तायील्ल्यान जेन्ना लोकांचे मत विचारतात, तेन्ना वाडीखातीर खंयचो म्हाल हाताळतले हे दाखोवपाक जाय आशिल्ले. d. अशे दिसता तो कोळसो आसा. जर कोळसो आसा जाल्यार पुराय केलल्या 60% कामात, घुमटीच्या प्रकारची कोळसो हाताळणी बांधल्या कांय कीते. फाटली कितलीशीच वर्सा कोळश्याचो पावडर आनी कोळसो रस्त्यार पडिल्ल्यान आनी वा-या वांगडा व्हावन गेल्ल्यान गोंयच्या लोकांक खुप त्रास जाल्यात. कसलीय वाड आमचे पर्यावरण, नुस्तेमारांच्या उपजिवीकेचो विध्वंस करतली आनी गोंयच्या लोकांक नुस्ते मेळचे ना. e. कोळसो आनी लाकडाच्या तुकड्यांक लागुन वास्को शाराची खुप हानी जाल्या. म्हजे नमळायेचे सांगणे आसा की हो प्रकल्प गोंय राज्य आनी ताच्या लोकांच्या हिताचो ना. f. गोंयच्या हिता खातीर हो प्रकल्प न्हयकारुंक जाय.	ड्रेजींग आधुनीकीकरण प्रकल्पाचो वाटो ना. प्रस्तावीत प्रकल्प हो कॅपीटल ड्रेजींग प्रकल्पा सयत वा ड्रेजींगा बगर आसा, जाचो सद्याच्या उदरगतीचेर परिणाम जावचो ना आनी नींबुन ना.

96. वसुधा सावयकार, फोंडा, गोंय

i.	USA तल्या JSW च्या उपकंपनीक तीन वेगवेगळ्या वेळार USA तल्या कायदो अधिकारणीन दंड घाला. डिसेंबर 2015 त, USA तल्या जिल्लो न्यायाधीशान, JSW स्टील उपकंपनीक न्यास - विरोधी कायद्याचे उल्लंघन केल्ल्या खातीर 156 दशलक्ष दंड फारीक करपाक सांगिल्ले.	टिप्पण्णी प्रकल्पा कडेन संबंधीत ना.
ii.	उत्तर अस्तंत मोझॅंबीकाच्या टेटे क्षेत्रात, जिंदाल मोझॅंबीक मिनरल्स चिरोझी कोळसो प्रकल्प चलयताले. तांच्या आगमना सावन सामाजिक हक्कांचे उल्लंघन, उक्त्या पीट मायनींगा वरवी पर्यावरणाक हानी आनी मोझॅंबीकन कामाची चुकिची वागणुक केल्ले खातीर जिंदाल जापसालदार आसा.	निरीक्षण समा ना..
iii.	भारतात, जिंदाल गुपाचेर वेगवेगळ्या उल्लंघनाचे आरोप जाल्यात आनी दिल्ली उच्च न्यायालयान दंड घाला. वेगवेगळ्या प्रकारची उल्लंघना आसात; a. कोल गेट घोटाळो: नवीन जिंदाल आनी हेरांचेर भ्रश्टाचार आनी गुन्यावकारी कारस्थानाचे आरोप आसात. b. जानेवारी 2017 त, कोळसो खंड वितरणा उपरांत, दिल्ली उच्च न्यायालयान छत्तीसगड खणीत फ्लाय डंप करपा खातीरची जिंदाल स्टीलाची याचिका रद्द केल्ली आनी 1 कोटी रुपयांचो दंड घाल्लो. c. फेब्रुवारी 2017 त, जिंगाल स्टील आनी हेर अधिका-यांचेर, पर्यावरणीय राखण नेमांचे उल्लंघन केल्ले खातीर FIR नोंद केल्ली. फेब्रुवारी 2017 पुलीसांनी गुन्यावकारी कागाळ नोंद केल्ली जांतुत आरोप केला की अंबा न्हंयच्या लागसार सरकारी जमनीचेर चिपांची झाडां कापल्यात आनी पर्यावरणीय मान्यताय घेयनास्तना न्हंयेत जेटी बांदल्या. d. कंपनीची अर्थीक परिस्थीती प्रस्नार्थक आसा. "डिफॉल्ट" क्रिसील ली. न JSPL's न रु. 32,638 कोटी इतले रीण फारीक करुंक ना आनी दुबळ्या रोख रक्कमीक लागुन मुजतीच्या रीणांवेले कळंतर फारीक करपाक कळाव जाला अशे म्हळां. जानेवारी 2017 त, SBI आनी हेर 8 बँकांनी जिंदाल स्टिल आनी उर्जा लिमीटेड कडल्यान रीण वसुल करपा खातीर सर्वोच्च न्यायालयात धाव घेतली. आमच्या स्रोतांवेल्या आमच्या हक्कांचो वापर वा मालकी वा हस्तक्षेप करपाक जिंदाल गुप राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार खंयच्या विश्वासाक पात्र ना आनी म्हणुन प्रस्ताव रद्द आनी न्हंयकारुंक जाय.	टिप्पण्णी प्रकल्पा कडेन संबंधीत ना.
97. ज्युडीथ कुतिन्हो, गोंय		
i.	Change.org चेर 900+ लोकांनी ऑनलायन याचिकेचेर सय केल्या "कोळश्याक ना म्हणात"	-
98. परशुराम यु सोनुरलेकर आनी हेर, मुरगांव गोंय		

i.	वेपार आनी उद्देगाची उदरगत जाता जो शंभरेक लोकांक रोजगार निर्माण करता, हांव MPT वेल्या धक्क्यांच्या वाडिक विरोध करीना मात MPT च्या धक्क्याचेर कोळसो हाताळपाक म्हजो खर विरोध आसा.	-
ii.	बंदराचेर केल्ल्या खंयच्याय प्रकारच्या वावराचो पर्यावरण, येरादारीची कोंयडी आनी प्रदुशणाचेर थेट परिणाम करता. बंदर शाराक सद्या येरादारी आनी पर्यावरणीय प्रदुशणाच्यो खुपश्यो समस्या आसात. धक्को 5A, 6A, 8 आनी 9 चो विस्तार वास्को आनी शाराच्या हेर वाठाराच्या उदरगतीक गंभीर समस्या निर्माण करतलो. गंभीर प्रदुशणाक लागुन शाराचो विध्वंस जातलो आनी प्रदुशणाक लागुन जावपी भलायकेच्या धोक्याक लागुन वास्कोच्या नागरीकांक जबरदस्तीन शार सोडचे पडतले.	उपकार करुन 1(iii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
iii.	वास्को आनी शेजारचो वाठार गंभीर कोळसो प्रदुशणाचो त्रास सोसता आनी अस्थमा, नवजात अर्भकांक गंभीर शवसनाच्यो समस्याचो उपचार हांचो त्रास सोसतात आनी बेगोबेग पर्यावरणीय मुल्यांकन करपाक जाय.	उपकार करुन 1(iv) दिल्लो प्रतीसाद पळयात..
iv.	अशे दिसुन आयला की कोळसो धांपपाक कसलेच उपाय घेतले ना. व्हडा प्रमाणात कोळसो हवेत उडता आनी वास्को आनी दाबोळी, चिखली आनी सांकवाळे वाठारा सयत लागसरच्या 8 किमी वाठारात फाफसता. वाणिज्यीक आनी निवासी वाठारात कोळसो बशिल्लो उक्त्या दोळ्यांनी पळोवपाक मेळता.	टर्मीनलावेलो कोळसो सदाच ताडपत्रीन धांपुन दवरतात आनी हवेक लागुन तयार जावपी कण लांब अंतराचेर वचचे न्हंय हया खातीर आडावपा खातीर वींड शील्डान संरक्षीत आसतात. उपकार करुन 105 (ii & iii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात..
v.	GPCB न अदानी, SWPL आनी MPT क जायत्यो नोटीसी जारी केल्यात, मात प्रदुशण आडावपाक आनी बंद करपाक तांका अपेस आयला आनी प्रदुशण दिसपट्टे वाडतच आसा आनी प्रस्तावीत वाड लाखांनी नागरीकांच्या जिवीताचो विध्वंस करतली.	GSPCB न दिल्ल्या आदेशांचे योग्य आनी बेगोबेग पालन केल्ले आनी योग्य प्रक्रीयेक पाळो दिवन प्रकरणीचे निराकरण केल्ले. उपकार करुन 105 (ii & iii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात..
99. पिटर सीरील आंद्राद, वास्को, गोंय		
i.	प्रकल्पाच्या प्रस्तावकां कडल्यान कसलोय कोयर घेवपाक मुरगाव नगरपालीका मंडळान (MMC) संमती दिल्या. प्रकल्पाच्या प्रस्तावकां कडल्यान कोळश्याच्या धुल्लान दुशीत कोयर घेवपाक मुरगाव नगरपालीका मंडळान (MMC) संमती दिल्या.	टर्मीनलाचेर तयार जावपी घन कोयर खुप उणो आसा आनी फुडे वीलो लावच्या खातीर MMC क दितात, आनी फुडारातय तशेच करतले.
ii.	तुमी SWPL, अदानी पोर्टस हांका तांचो कोळश्याचो म्हाल 25% उणे करपाचो आदेश दिला, तुमी हया आदेशाक कडकपणान पाळो दिला.	GSPCB न दिल्ल्या आदेशांचे योग्य आनी बेगोबेग पालन केल्ले आनी योग्य प्रक्रीयेक पाळो दिवन प्रकरणीचे निराकरण केल्ले.
iii.	प्रस्तावात केपसायज जहाजां हाडपाची येवजण आसा, अश्या तरेच्या केपसायझ जहाजातल्यान सोडपी म्हेळे तेल आनी जहाजाचे तेल हाताळपाचे नियंत्रण करपाक तुमी सक्षम आसात.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो केप सायझ जहाजां सयत वा बगर आसा, जाचो सद्याच्या उदरगतीचेर परिणाम जावचो ना आनी नींबुन ना. तशेच समुद्री वटेनच्या वावराचे नियंत्रण MPT करता.
iv.	श्री दामोदर दिवेकर हांची 23.01.2017 तारखेची क्र. 19020 खाला कागाळ आसा की म्हळे तेल	टिप्पणी प्रकल्प प्रस्तावका कडेन निर्देशीत ना.

	बेकायदेशीरपणान हाताळतात, ह्या कागाळीचेर कारवाय कित्याक करुंक ना?	
v.	इतीवृत्तात तुमी उलोवपी हे प्रकल्पाक आक्षेप घेवपी असे नमुद केला, तुमी आमका सांगुक शकतात की कितल्या जाणांनी प्रतीनिधीत्व करुन वा हेर प्रकारान ह्या प्रकल्पाक तेंको दिला?	प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या फावरान लेखी संमती दिल्ले 250 वयर प्रतीनीधी आसात.
vi.	GSPCB न सोनशी गावांतल्या वाठारातल्या 12 मायनींग लीजांक दिल्ली संमती फाटी घेतल्या, जाल्यार सुमार सप्तका आदी तुमी मुरगाव बंदरावेल्या कोळसो आयातदारांक तांची कोळश्याची आयात 25 % नी उणी करपाचो आदेश दिला. एका प्रकरणात तुमी बेगोबेग बंद करतात आनी दुस-या प्रकरणात तुमच्या आदेशाचे आनी संमती दितना तुमी घाल्ल्या अटींचे उल्लंघन करुनय तुमी हाताळणी उणी करतात, हो दुट्टप्पीपण न्हंय	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावका कडेन निर्देशीत ना.
100.	**चिखली, दाबोळी, गोंयातले रहिवाशी, 70 सयो करपी**	
i.	MPT तल्या धक्को 5A, 6a वेले SWPL च्या 7.5 MTPA क्षमतायेच्या सद्याच्या वावराक लागुन, सागरी पर्यावरण, भुंय पर्यावरण, सरभोवतणच्या हवेचो दर्जो, जमिन आनी अभ्यास क्षेत्रात रावपी लोकसंख्येच्या सामाजिक-अर्थीक पैलुंचो -हास केला, जाचो उल्लेख करुंक आनी आधारभूत डेटाचो विस्तार करुंक अहवालात अपेस आयला.	वायु, उदक, पर्यावरण (सागरी नी जमीन) आनी भुंय पर्यावरणाचो तपशीलान आधारभूत दर्जो ईआयए अहवाल, प्रकरण 3 त दिला. देखरेख केल्लो पर्यावरणीय डेटा वायु दर्ज्याच्या नेमांत आसात आनी तशेच बंदर आनी हार्बरा खातीर MoEFCC न निश्चित केल्ल्या वर्ग IV जल दर्जो मानकांत आसात, आडवाद म्हळ्यार कांय अवजड धातू मापदंड जे मानवनिर्मीत उत्पत्ती आसात.
ii.	सद्याच्या वावराक लागुन वायु प्रदुशणाचो आधारभूत पांवडो अधोरेखीत करुंक ईआयए अभ्यासात अपेस आयला. जो मेरेन सद्याच्या प्रदुशणाचो पांवडो कळना आनी सद्या स्थापीत केल्ल्या म्हाल हाताळणी यंत्रणा, धुल्ल बंद करपाची यंत्रणा आनी आडखळी हांचे अपेस स्थापीत जायना, तोमेरेन 15 MTP कोळसो, चुनखडी आदी हाताळणीच्या प्रस्तावाच्या फुडल्या पांवड्यार अहवाल वचूंक शकना.	उपकार करुन 1(iii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
iii.	थळाव्या लोकांमदी श्वसन आनी फुफुसांची दुर्यंसा व्हडा प्रमाणात जाल्यात आनी खासा करुन भुरगी आनी वरिश्ट नागरीकांक दिस रात वा-याचेर उफेंवपी कोळश्याच्या धुल्लाक लागुन मार बसला, जे MPT च्या धक्को 5a, 6a चेर कोळसो हाताळणी सुरु जाल्ल्या सावन चालु आसा. सागरी जिवीत, वनस्पत, प्राणी हांच्यो कांय प्रजाती नामशेश जांवक ना तरी खुप कमी जाल्यात.	उपकार करुन 1(iii) and 107(i) वयर दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
iv.	फेब्रुवारी 2010 त NIO न केल्लो अहवाल सकयले प्रमाण निश्कर्श काडता. • चिखले खाडीत समृद्ध सागरी जैवविवीधताय - 200 वयर वनस्पत आनी प्राण्यांच्यो प्रजाती उदकांत आसात. कांय प्रजाती जशे की, polychaetes, ज्यो वाठारात ह्या आदी नोंद जावंक नाशिल्ल्यो त्यो प्रजाती गोंयातल्या उदकांत प्रवेश करतात. • चिखले खाडीच्या मोव, मेसी थरात वींडोपॅन ऑयस्टरांचो सैमीक साठो आसा. जरी तांचो आकडो बरे परिस्थीतीत आसलो तरीय तांका अती वापर, प्रदूशण, गाळ साचप आनी हेर मनीस निर्मीत वावराक लागुन भंय आसा. • दिश्टी पडिल्ली मुखेल समस्या म्हळ्यार अती वापर आनी धातूचे प्रदुशण जाका लागुन ही महत्वाची शीपल्यांच्यो प्रजातीं नश्ट जावपाक शकता.	उपकार करुन 5(viii.c) उपकार करुन.

	• 'उक्तो प्रवेश' नुस्तेमारी आनी विध्वंसक तशेच उधळपट्टीच्या नुस्तेमारी प्रथांक लागुंन सैमीक स्रोतांचो अती वापर जाता आनी ते नश्ट जातात. • तापमानात वाड जाल्ल्यान ऑयस्टरांची अवजड धातुंची संवेदनशीलताय वाडता, कारण तापमान जनावरांतल्या अवडजड धातू विखारीपणाच्या सहनशीलतायेचेर परिणाम करता. हाका लागुन ऑयस्टरांचो अती वापर, त्याच वांगडा वाडिल्ले तापमान आनी प्रदूशणाचो पांवडो, खासा करुन अवजड धातू, *P. Placenta* ची लोकसंख्या थळाव्या वाठारात नश्ट जावपाक पावला.	
101.	**रुई एम. डा कोश्टा आरावजो, चिखली जैवविवीधताय वेवस्थापन समिती, चिखली, मुरगांव, गोंय**	
i.	कोळश्याच्या हाताळणी वेळार कोळसो कांय प्रमाण उदकां स्रोत वा न्हंयेत पडता हे सत आसा. कोळसो जैवविवीधतायेचेर परिणाम करचो ना हाची खात्री करच्या खातीर किते उपाय घेतल्यात.	कोळशो, लोह खनीज सारखो बल्क म्हाल बंद ग्रेब अनलोडरान हाताळतले.
ii.	ताचो न्हंयेतल्या जैवविवीधतायेचेर परिणाम जायना हया खातीर किते अभ्यास केला.	उपकार करुन 107(i) उपकार करुन.
iii.	वास्को नगरपालीकेच्या BMC सयत थळाव्या जैवविवीधताय वेवस्थापन समितीची (BMC) भूमीका आसपाक जाय.	प्रतीसाद दिवक ना
iv.	NIO न केल्लो अभ्यास पळयला आनी तांतुत शिफारस केल्या की चिखली खाडी संरक्षीत वाठार म्हण जाहिर करच्या खातीर प्रक्रिया सुरु करची.	प्रतीसाद दिवक ना
v.	चिखली खाडी ही वींडोपॅन ऑयस्टरां खातीर (*Placuna Placenta*) प्रजनन सुवात आसा आनी रानां जीव संरक्षण कायदो 1972 खाला ती अनुसूचीत IV प्रजाती आसा.	उपकार करुन 5(viii.c) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात
102.	**मॅगी सिल्वेरा, भारत मुक्ती मोर्चा, दिवाडी, गोंय.**	
i.	MPT त कोळसो हाताळणीक लागुन जावपी प्रदुशणाक लागुन फाटले दसकभर लोकांचो बोवाळ चालू आसा.	उपकार करुन 1(iii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात
ii.	लोकांच्या सहभागा बगर, MoEFCC न MPT क कॅपीटल ड्रेजींग आनी केपसायज जहाजां खातीर सुचालन कालवो खोल करपाक मान्यताय दिवपाक आक्षेप.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
iii.	कर्नाटकांतल्या अंतर्गत वाठारातल्या JSW उर्जा प्रकल्प आनी स्टील फॅक्टरीक कोळश्याची पुरवण करच्या खातीर आनी फेरयेच्या लावाखातीर कालवो खोल करतात.	प्रस्तावीत प्रकल्प हो कालव्याच्या डिपनींगा सयत वा बगर आसा. जाचो सद्याच्या उदरगतीचेर परिणाम जावचो ना आनी नींबुन ना.
iv.	जेन्ना उदकाचो उणाव आसा, तेन्ना कोळश्याचो उजो पालोवच्या खातीर JSW क दर दिसा 5 लाख लिटर उदक उपलब्ध करुन दिवप शक्य आसा.	उपकार करुन 23(xii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
v.	कोळश्याची आयात वाडोवप म्हळ्यार मांडवी झुवारी न्हंयात बार्जाची येरादारी वाडप. न्हंयात नुस्तेमारी वावराक लागुन बार्जींची येरादारी गती उणी केल्ल्या खातीर वेदांता सारख्या मायनींग कंपन्यांनी नुस्तेमार खात्यावरवी नुस्तेकारांचेर कागाळ नोंद केल्या. बार्जीच्या येरादारीत वाड जाल्ल्यान नुस्तेमा-यांची उपजिवीका ना जातली.	टिप्पण्णी प्रकल्प प्रस्तावकाक निर्देशीत ना.
vi.	ईआयए अहवाल झुवारी न्हंयेच्या देगेवेल्या काणका आनी ओशेल सारख्या नुस्तेमारी गावांचो उल्लेख ना.	उपकार करुन 23(viii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

vii.	केपसायज जहाजां खातीर कालवो खोल केल्यार पर्यावरण आनी भोवशीक भलायकेचेर परिणाम जातलो, जाचे मोल गोंयकारांक परवडचे ना.	उपकार करून 109(iii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
viii.	मार्गार बार्जी धुंवप आनी बाकी उरिल्लो कोळसो आनी खनीज मांडवी आनी झुवारी न्हंयांत वडवप हाका लागुन न्हंयेचे प्रदूशण वाडतले जाका लागुन पर्यावरण आनी उपजिवीकेचेर अदमास करपाक जायना अशे आनी उरफाटो करपाक जायना अशे परिणाम जातले.	SWPL कोळसो हाताळणी खातीर सद्या बार्जी वापरना आनी फुडारातय शक्यताय ना.
103.	**डेबी गोयंका, संवर्धन कृती ट्रस्ट, मुंबय**	
i.	सद्याच्या बंदरा खातीर मेळयील्ल्यो पर्यावरणीय, रानां आनी CRZ मान्यतायेच्यो प्रती दियांत.	मुरगाव बंदरात दोन भोवउद्देशी म्हाल धक्क्यांच्या (5A & 6A) बांधकामाक GoI, शिपींग मंत्रालयान, (बंदर विभाग) पत्र क्रमांक PD-26018/2/2000-PDZ(CRZ) तारीख 24.01.2001 वरवी, MoEF अधिसूचोवणी क्र. H-11011/6/97-IA.III तारीख 9 जुलै, 1997 (SO क्र. 494 (E) खाला पर्यादरणीय मान्यताय दिल्या.
ii.	उपकार करुन त्या खातीरच्या अनुपालन आनी देखरेख अहवालाच्यो प्रती दियात. हया संबंधान दाखल जाल्ल्यो कागाळी आनो केल्ली कारवाय, आसल्यार तांची प्रत दियात.	अनुपालन आनी देखरेखीचे अहवाल, नेमां प्रमाण MoEFCC, RO कार्यालय बेंगलोर हांगा नेमाक सादर केल्याक.
iii.	प्रस्तावीत प्रकल्पाचो कितलो वाठार CRZ वाठारात येता? उपकार करुन CRZ विभागा खाला येवपी दर एका वाठाराचे तपशीलवार वर्णन, नकाशे आनी गुगल चित्रां वांगडा दियात.	CRZ अधुसीचोवणी 1991 आनी 2011 खाला बंदर वावर मान्यतायप्राप्त आसा. धक्को 5A, 6A चेर बंदर वावरा खातीर CRZ NOC विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी पर्यावरण खाते, गोंय हांच्या कडल्यान पत्र क्र. 7/13/90/STE/DIR/140 तारीख 27.09.2000 वरवी मेळयल्या.
iv.	प्रस्तावीत प्रकल्प वाठार आनी अभ्यास वाठारात येवपी चीपांची झाडां, चिखल, प्रवाळीं, मीठाची दलदल, रेंव, फातरट वाठार हांचो तपशील दियात.	किनारी सागरी प्रजाती जशे की प्रवाळीं, कासव, डुगॉन्स, समुद्री तण, चीपांची झाडां आदी हांचेर ईआयए अहवाल, प्रकरण 3: पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.9, पान क्र. 3-61 उपरांत त्या त्या विभागात योग्य तरेन भासभास केल्या.
v.	MoEF न मान्यताय दिल्ल्या CZMP चेर प्रकल्पाच्या प्रस्तावकांन CRZ वाठार आनी HTL - LTL रेशा, बफर वाठार तशेच चिखल, रेवेची टेकडी आनी प्रवाळ्यांचे 1:4000 मापकाचेर प्रतीचित्रण केला? हय जाल्यार, दियात.	MoEFCC ची अधिकृत यंत्रणा, इन्स्टीट्युट ऑप रिमोट सेन्सींग, अन्ना विज्ञापीठान CRZ वाठार आनी HTL LTL रेशेचे मॅपींग CRZ अधिसूचोवणी, 2011 प्रमाण 1:4000 हया मापकाचेर केला.
vi.	वाठारातल्या सागरी येरादारीत कितली वाड जावपाची शक्यताय आसा? वाडिल्ल्या सागरी येरादारीक लागुन प्रदुशणात कितली वाड जातली?	सागरी उदकांतलो वावर MPT नियंत्रीत करता, कारण बंदराचे संरक्षण तांची जबाबदारी आसा. SWPL चे सुचालन, जहांजांची हालचाल आनी हेर संबंधित वावराचेर नियंत्रण ना आनी आमी ताचो अचूकपणान अदामास बांधूंक शतनात. 5A आनी 6A धक्क्याचेर येरादारीत उल्लेखनीय वाड आसची ना.
vii.	उदकाच्या दर्ज्याच्या अपेक्षीत अधोगतीचो तपशील उपकार करुन दियात.	विस्तार वावराक लागुन उदकाच्या दर्ज्यात कसलोच उणाव येवचो ना, कारण; a. समुद्रा वटेनच्या वावरात वाड ना. b. कोळश्याचो म्हाल वर्सभर पुरायपणान वॉटरप्रुफ धांपण्या खाला आसा. पावसाच्या दिसानी जालेच जाल्यार म्हालातल्यान व्हांवपी उदक स्थायीक तळ्यात एकठाय करतात आनी

		प्रक्रिया करतात. c. थेट भायर सोडपाक परवानगी ना d. धक्को धुवपाची शक्यताय ना.
viii.	अभ्यास क्षेत्रात कासवांची तांतया घालपाच्यो सुवातो आसात? उपकार करुन सगलो तपशील दियात.	प्रकल्प सुवातेच्या 10 किमी परिघात कासवाच्यो तांती घालपाच्यो सुवातो ना. उपकार करुन, ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.11, पान क्र. 3-62 पळयात.
ix.	निरीक्षण क्षेत्रात हेर खंयचेय धोक्यातले सस्तन प्राणी हाजीर आसात?	अभ्यास वाठारात धोक्यातले सस्तन प्राणी ना. उपकार करुन, ईआयए अहवाल, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.11, पान क्र. 3-62 पळयात.
x.	जहाज आनी बार्जाच्या हालचालीचो वाठाराच्या सागरी पर्यावरणाचेर किते परिणाम जातलो?	टर्मीनल 2004 वर्सा सावन कार्यान्वीत आसा आनी अधिसूचीत मुरगाव बंदर वाठारात आसा. सागरी उदका वटेनच्या वावराचे नियंत्रण MPT करता, कारण बंदराचे संरक्षण तांच्या अधिकारात आसा. सुचालन, जहाजांची हालचाल आनी हेर संबंधीत वावरात SWPL चे नियंत्रण ना.
xi.	हाचो सागरी जिवीत आनी पक्ष्यांचे जिवीत आनी थळाव्या नुस्तेमार समुदायाच्या उपजिवीकेचेर किते परिणाम जातलो?	प्रस्तावीत क्षमताय वाडीचो भाग म्हण प्रकल्प प्रस्तावकान कसलोच ड्रेजींग वा सुधारणाचो प्रस्ताव दवरुंक ना. सागरी जिवीत वा पक्षी जिवीत वा हेर वसाहतीत व्यत्यय येवचो ना कारण प्रस्तावीत प्रकल्पा खातीर नवी/अतिरीक्त जमीन वा वॉटरफ्रंटची गरज ना. सुरक्षेच्या कारणांक लागुन बंदर वाठार आनी कालव्याच्या लागसर नुस्तेमारीक मान्यताय ना कारण बंदर ISPS चे पालन करपी आसा.
xii.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागुन नुस्ते धरप आनी नुस्तेमा-यांच्या उपजिवीकेचेर विपरीत परिणाम जातलो. विपरीत परिणाम उणे करपाक आनी नुस्तेमा-यांक तांच्या अर्थीक लुकसाणेची भरपाय दिवपाक किते पावलां उबारल्यात?	सुरक्षेच्या कारणांक लागुन बंदर वाठार आनी कालव्याच्या लागसर नुस्तेमारीक मान्यताय ना कारण बंदर ISPS चे पालन करपी आसा. प्रकल्प 2004 सावन कार्यान्वीत आसा. क्षमतायेतली वाड ही फक्त सुविधेच्या आधुनीकीकरणाचो परिणाम आसा आनी अतिरीक्त वॉटरफ्रंट वा जमनीचो वापर जावचो ना. हाका लागुन प्रकल्पाचो नुस्तेमा-यांच्या उपजिवीकेचेर परिणाम जावचो ना. खरे म्हळ्यार, SWPL CSR वावरा वरवी नुस्तेमा-यांचो सामाजिक अर्थीक दर्जो वाडोवपाक बांधिल्ले आसा.
xiii.	त्या खातीर प्रस्तावीत शमन उपाय खंयचे?	वावराचे आधुनिकीकरणा वांगडा अदीक प्रभावी, एकवटीत आनी कार्यक्षम वायु प्रदुशण नियंत्रण उपाय (APCMs) येतले. संवेदनशील घटकां वांगडा पर्यावरणाचेर विपरीत परिणामात वाड जावपीची शक्यताय ना. शमन उपाय प्रकरण 4, परिणाम मुल्यांकन आनी शमन उपाय, पान 4-1 हांगा प्रस्तावीत आसात.
xiv.	कितल्या प्रमाणात म्हालाचे ड्रेजींग जातले?	आमचे आधुनीकीकरण आनी ताचो परिणाम म्हण क्षमताय वाड प्रकल्पाचो भाग म्हण ड्रेजींग प्रस्तावीत ना.
xv.	ते खंय वडयतले?	उपकार करुन 110(xiv) हाका वयर दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
xvi.	प्रस्तावीत प्रकल्पाचो भूंय वापर तपशील आनी भुंय वापर नकाशो आनी हरीत पट्टो आराखड्याचो	प्रकल्पाचो ईआयए अहवाल GSPCB च्या संकेतस्थळार प्रदर्शीत केला. ईआयए अहवालात, प्रकरण

	तपशील दियात.	3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.13 हांगा वाठाराच्या भुंय वापर नमुन्याचो तपशील दिला. भुंय वापरात बदल आसचो ना. प्रकल्पाच्या वाठारात 1400 m^2 (अंदाजे) जांतुत 700 झांडा रोयील्लो हरीत पट्टो उबारला. हरित पट्ट्याच्या उदरगतीची आवश्यकताय सामान्यपणान, पुराय बंदर सुवाते खातीर हातात घेतात. कार्यान्वीत अनिवार्यतायेक लागुन प्रत्येक धक्क्या खातीर विस्कटावप करतात खुपश्या वेळार शक्य जायना. मात, वाठार हरीत करुंक आनी क्षणीक उत्सर्जन आडावपाक सगले यत्न करतात. झुडपां आनी लांब केनोपी झांडा रोवन, पानांची घनता वाडोवपाचो प्रस्ताव आसा.
xvii.	म्हालाच्या अतिरीक्त येरादारीक लागुन रस्तो आनी रेल्वे साधनसुविधेचेर किते परिणाम जातलो?	प्रकल्पात सद्या म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जायना आनी आधुनिकीकरण प्रकल्पात ती प्रस्तावीत ना. रेल्वे रुळाच्या विस्ताराचो SWPL कडल्यान प्रस्ताव ना. म्हालातली वाड सद्याच्या रेल्वे साधनसुवीधेत आस्पावन घेवपाक जाता.
xviii.	येरादारीच्या केल्ल्या अभ्यासाच्यो प्रती दियात.	उपकार करुन 110(xvii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
xix.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागुन नव्या रस्तो आनी रेल्वे रुळाच्या बांधकामाचो आनी रुंदीकरण करपाचो पुराय तपशील तशेच नव्या रस्त्याचे आनी रेल्वे रुळाचे बांधकाम वा रस्तो रुंदिकरणाक लागुन परिणाम जावपी रानां जमीन CRZ वाठार, ESZs आदी हांचो तपशील दियात.	उपकार करुन 110(xvii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
xx.	अभ्यास वाठारात चीपांची झाडां सापडल्यात. जहाज, बार्ज आनी रस्तो येरादारीत वाड जाल्ल्यान चिपांच्या वाठाराचेर भरपुर परिणाम जातलो.	आधुनिकीकरणा खातीर प्रस्तावीत सद्याचे टर्मीनल झुवारी न्हंयेतल्या चीपांच्या धाडां कडल्यान पयस आसा. टर्मीनलाचे वावर हो 2004 सावन चालू प्रक्रिया आसा. रस्तो येरादारीची शक्यताय ना.
xxi.	तेलाचो फैलाव वा हेर कसलोय रासायनीक फैलाव, तशेच कोळश्याचो धुल्ल, हाका लागुन चीपांच्या झाडांचेर परिणाम जातलो. ह्या अनिश्चीत घडणुकेक कडल्यान चीपांच्या झाडांची राखण करपाक किते पावला उबारपाचो प्रस्ताव आसा?	सद्या तेलाच्या म्हालाची हाताळणी जायना, क्षमताय वाडाचो भाग म्हण ते हाताळपाचो प्रस्ताव ना. SWPL चो उदका वटेनच्या वावरात आस्पाव ना आनी बंदराचे संरक्षण ही बंदर न्यासाची जापसालदारकी आसा. म्हणुन तेलाच्या फैलावाची अकस्मीतता SWPL च्या जापसालदारकीचो भाग ना.
xxii.	प्रस्तावीत प्रकल्पाक लागुन किनारी रेशा alter जातली जाचो परिणाम चीपांच्या झाडांचो वाठार आनी निस्तेमारी वाठाराचेर जातलो. हानी उणी करपाक किते पावलां प्रस्तावीत आसात.	नवे बांधकाम वा सद्याच्या कार्यान्वीत धक्क्याच्या परिमाणांत बदल धक्क्यांच्या आधुनीकीकरणाचो भाग म्हण प्रस्तावीत ना. म्हणून, किनारी रेशेत बदल जावपाची शक्यताय ना. म्हणून चीपांची झांडा आनी नुस्तेमारीचेर परिणाम जावपाची शक्यताय ना.
xxiii.	उपकार करुन अभ्यास क्षेत्रात सापडिल्ल्या चीपांच्या झाडांची पुराय वळेरी फोटोसयत दियात.	प्रकल्पाचो ईआयए अहवाल GSPCB च्या संकेतस्थळार प्रदर्शीत केला. ईआयए अहवालात, प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17.12 हांगा अभ्यास क्षेत्रातल्या चीपांच्या झाडांच्या वितरणाचो तपशील दिला.
xxiv.	प्रस्तावीत वाठाराच्या सरभोवतणी कीतले नुस्तेमार पारंपारीक नुस्तेमारीचेर नींबुन आसात? आनी तांच्या उपजिवीकेच्या जाल्ल्या हानी खातीर तांका कशी भरपाय दितले?	उपकार करुन 110(xii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.

xxv.	उपकार करुन प्रकल्पा खातीरच्या सामाजिक परिणाम मुल्यांकन अभ्यास अहवालाची प्रत दियात.	सामाजिक अर्थीक परिणाम प्रकरण 4, परिणाम मुल्यांकन आनी शमन उपाय, विभाग 4.4, पान क्र. 4-17 हांगा दिल्यात.
xxvi.	जांच्या उपजिवीकेचेर परिणाम जातलो त्या लोकां खातीर लुकसाण भरपाय/ परतफेड आराखडो आसा? उपकार करुन पुराय तपशील दियात	उपकार करुन 110(xii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
	बांधकाम आनी कार्यरत पांवड्यार उदकाचो स्रोत किते? म्हळे आनी दूशीत उदकाचेर कशी प्रक्रीया जातली?	प्रस्तावात मुखेल नागरी बांधकामाची शक्यताय ना, आनी म्हणुन बांधकामाच्या वावरा खातीर उदकाचो वापर किमान आसतलो. उदकाच्या फवारणी खातीर SWPL सद्या MPT च्या STP कडल्यान प्रक्रिया केल्ले म्हेळे दक वापरता. धुल्लाच्या दमना खातीर अतीरिक्त उदक PWD चलयता त्या बायणातल्या सद्या कार्यान्वीत आशिल्ल्या CETP तल्यान घेवपाचो प्रस्ताव आसा. उपकार करुन ईआयए अहवालात प्रकरण 5, पर्यावरणीय वेवस्थापन आसाराडो, विभाग 5.3.2, पान क्र. 5-15 हांगा जल संतुळन आकृती पळयात.
xxvii.	उपकार करुन, पर्यावरणीय अभ्यास करच्या खातीर केल्ल्या फिल्ड भेटयेचो पुराय तपशील तशेच फिल्ड नोटाचो तपशील दियात. उपकार करुन पंगडाचे वांगडी, तांची शीक्षणीक पात्रताय आनी पर्यावरणीय डेटा एकठाय करच्या खातीर घालयिल्ले कार्य दिसाचो आकडो हांचो तपशील दियात.	ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.18, पान क्र. 3-63 हांगा अभ्यास क्षेत्राच्या भुंय पर्यावरणाचो तपशील दिला. विभागात दिल्ली दुय्यम म्हायती, गोंयच्या राज्य रानां अहवाल, 2011 तल्यान घेतल्या.
xxviii.	सागरी पर्यादरणशास्त्र आनी उदकाशास्त्राचो अभ्यास करपा खातीर केल्ल्या फिल्ड भेटीचो पुराय तपशील तशेच फिल्ड टीपां दियात. उपकार करुन पंगडाचे वांगडी, तांची शीक्षणीक पात्रताय आनी पर्यावरणशास्त्र आनी उदकाशास्त्राचो डेटा एकठाय करच्या खातीर घालयिल्ले कार्य दिसाचो आकडो हांचो तपशील दियात.	ईआयए अहवालाच्या प्रकरण 3, पर्यावरणीय आधारभूत दर्जो, विभाग 3.17, पान क्र. 3-17 हांगा सागरी पर्यावरणीय अभ्यासाचो तपशील दिला. ईआयए अभ्यास अहवाल WAPCOS ली. हांणी तयार केला, जो भारत सरकाराचो उपक्रम आसा आनी NABET मान्यतायप्राप्त सल्लागार, जाका MoEFCC ची स्वीकृती आसा, आनी तांका तरेकवार प्रकल्पांचो अणभव आसा.
xxix.	प्रस्तावीत प्रकल्पात कितल्या रानां जमनीचो आस्पाव आसा? उपकार करुन तपशीलान म्हायती दियात. हो वाठार रानां खात्याकडल्यान हस्तांतरीत केला?	प्रकल्पात रानां जमनीचो आस्पाव ना.
xxx.	प्रस्तावीत प्रकल्पा खातीर कीतल्या वाठाराची सुधारणा जातली? उपकार करुन हाचे भुंय आच्छादन आनी भुंय वापर तपशील तशेच नकाशे आनी गुगल अर्थ चित्रां दियात.	प्रकल्पात सुधारणेचो आस्पाव ना
xxxi.	सुधारणेचो भारती सुकती आनी ल्हारांच्या नमुन्याचेर किते परिणाम जातलो? सुधारणेक लागुन खंयच्या वाठारात झीज जातली?	प्रकल्पात सुधारणेचो आस्पाव ना
xxxii.	ड्रेजींगा खातीर कसल्या प्रकारची पद्दत वापरतले? कितल्या वाठाराचे ड्रेजींग करतले?	प्रकल्पात ड्रेजींगाचो आस्पाव ना.
xxxiii.	उपकार करुन कंपीटल ड्रेजींग आनी सांबाळ ड्रेजींगाचो तपशील दियात.	प्रकल्पात ड्रेजींगाचो आस्पाव ना.
xxxiv.	TORs क पुरायपणान पाळों दिला?	ईआयए अभ्यास, MoEFCC न जारी केल्ल्या ToR प्रमाण केला.
xxxv.	बंदर आनी हार्वरावेल्या MoEF च्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण ईआयए तयार केला?	बंदर आनी हार्बरा खातीरच्या विशिश्ट क्षेत्र ईआयए मार्गदर्शन पुस्तीकेचेर आधारुन ईआयए अहवाल तयार केला.
xxxvi.	बलास्ट उदकाचो सागरी जैववीवीधतायेचेर परिणाम किते? बलास्ट उदक, जहाजातले उदक आदी हाताळपाक प्रकल्पात किते तजवीज केल्या?	सागरी/उदका वटेनच्या वावराचे नियंत्रण MPT करता, कारण बंदराचे संवर्धनाचो वावर तांच्या कडेन आसा. सुचालन, जहाजांची सुवात बदलप आनी हेर संबंधीत वावराचेर आमचे नियंत्रण ना. बलास्ट उदकाची मार्गदर्शक तत्वां, MPT जहाजांक कळयता आनी आमका खबर आसा त्या प्रमाण

		तांका खरपणान पाळो दितात.
xxxvii.	प्रकल्प पांवड्यांनी प्रस्तावीत आसा. प्रकल्पाचो जावपी पुराय परिणाम समजुवपाक पुराय चित्राची गरज आसा. प्रकल्पाचे तुकडे केल्ल्यान पुराय परिणाम समजना, आनी प्रकल्पाचे सगले घटक पुरायपणान मुल्यमापन करप महत्वाचे आसा.	प्रस्न स्पश्ट ना, म्हणुन प्रतीसाद दिंवक ना.
xxxviii.	कोळसो कसो साठयतले आनी ताची येरादारी जातली?	कोळश्याचो साठो सदाच ताडपत्रीन धांपुन दवरील्लो आसता, आडवाद फक्त कोळश्याचो साठो करच्या वेळार आनी काडच्या वेळार, जे करतना उदकाची फवारणी जाता. प्रकल्पात सद्या म्हालाची रस्त्यावेल्यान येरादारी जायना आनी प्रस्तावीत आधुनीकीकरण पांवड्यारय ताचो प्रस्ताव ना. म्हालाची येरादारी रेल्वे वरवी जाता. लोडींग वावरा उपरांत, पुराय पणान दोरखंडान बंद करुन, इन मोशन वॅगोन यंत्रणा वापरुन ट्रेनीच्या म्हालाचे डबे बेगोबेग आनी आपचलीतपणान धांपतात, हाका लागुन कसलोच म्हाल भायर सरपाची शक्यताय नासता. हो शून्य आडवाद आनी शून्य चूक वावर, जो प्रकल्प प्रस्तावक पुराय कडकपणान करतात.
xxxix.	सद्याचे आनी प्रस्तावीत प्रदुशण उणे करपाक किते पांवला प्रस्तावीत आसात?	उपकार करुन 1(iii) दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
xl.	ट्रक आनी अवजड उपकरणांचे पार्कीक, धुंवप आनी सांबाळ हांच्या खातीर सद्याच्यो सुविधा किते आसात?	ट्रक वा रस्त्यावेल्यान सद्या येरादारी जायना आनी तेच फुडे चालू दवरतले.
xli.	चालक आनी क्लीनरां खातीर कसल्यो सुवीधा उपलब्ध आसतल्यो?	ट्रक वा रस्त्यावेल्यान सद्या येरादारी जायना आनी तेच फुडे चालू दवरतले.
xlii.	रस्ते, रेल्वे, कालवे, पायपलायनी, वितरण वाहिनी आदी खातीर भुंयसंपादन केल्ल्यान जमनीचे कुडके जातले आनी वाठारातल्या जमनीचो वापर आनी भुंय आच्छादन हांतुत बदल जातले. परिणाम किमान करच्या खातीर किते पावला उबारल्यात?	प्रकल्पात भुंय संपादनाचो आस्पाव ना.
xliii.	खंयच्या वेळार किमान ट्रक आनी कंटेनर हाताळतले ताच्या मुल्यांकनाचेर आधारुन बंदराच्या भीतर आनी भायर ट्रकांचे पार्कीक आनी कंटेनरांचो साठो हांच्या खातीर वाटुंन घाल्ल्या सुवातांचो पुराय तपशील दियात आनी नकाश्याचेर दाखयात.	ट्रक वा रस्त्यावेल्यान सद्या येरादारी जायना आनी तेच फुडे चालू दवरतले.
xliv.	उपकार करुन, बंदरा भीतर आनी भायर बंदरा कडेन संबंधीत वावरात आस्पावीत गिरायक, GSPCB आनी हेर यंत्रणांक उपसब्ध करुन दिल्ल्या सुविधांचो तपशील दियात. .	हि सुवीधा अबकारी, GSPCB आनी हेर यंत्रणांक MPT सवलत म्हण दितात.
xlv.	प्रकल्प सुवातेच्या सरभेवतणी कितली सेगीत वायु देखरेख स्थानकां उबारल्यात? SO2, NOx, CO, ओझोन आनी PM10 चे तुमच्या देखरेख यंत्रणेन नोंद केल्ले कमाल आनी किमान रिडींग कीतले आसा? वायु देखरेख स्थानकाचेर केल्ल्या सांबाळ वावराचो तपशील आनी उपकरणांचो सांबाळ आनी दुरुस्तींचेर कितलो खर्च आयला ताचो तपशील दियात.	GSPCB न सुचयिल्ल्या धोरणीक सुवातेर एक सेगीत वायु देखरेख स्थानक स्थापीत केला. पुरवणदार CAAQM ची नेमान तपासणी आनी राखण करता.
xlvi.	वायु प्रदुशणाची देखरेख करपाक नियुक्त केल्ले कर्मचारी आनी तांच्या तंत्रीक पात्रतायेचो तपशील दियात.	देखरेखी खातीर SWPL चे कुशळ कर्मचारी तशेच MoEFCC मान्यतायप्राप्त प्रयोगशाळा नेमल्या.
xlvii.	लोकां खातीर वायु देखरेख डेटा ऑनलायन उपलब्ध कित्याक ना.	चिखले हवा दर्ज्याचे सेगीत प्रदर्शन जाता. डेटा नेमान GSPCB क सादर करतात.
xlviii.	उपकार करुन एकठाय ईआयए अहवालाची एक प्रत दियात.	GSPCB च्या संकेतस्थळार ईआयए अहवाल प्रदर्शीत केला.

xlix.	विवीधतायेचो सांबाळ करच्या खातीर खंयचेय उपाय सद्या हातात घेतील्ले? उपकार करुन तांचो तपशील दियात.	उपकार करुन 110(xiii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात. तशेच, ह्या प्रकल्पाक लागुन सागरी वटेनच्या वावरात वाड जावची ना.
l.	उपकार करुन वनस्पत आनी प्राण्यांची राखण करपाक सद्याच्या आनी प्रस्तावीत शमन उपायांची म्हायती दियात.	उपकार करुन 110(xiii) आमी दिल्लो प्रतीसाद पळयात.
li.	ह्या वाठारात खंयचेय भंय आशिल्ले, भेदनीय, धोक्यात आशिल्ले, गंभीर पणान धोक्यात आशिल्ल्या वनस्पत आनी प्रण्याच्यो प्रजाती सापडल्या? उपकार करुन तांचो तपशील दियात.	धोक्यातल्यो, भेदनीय, हुस्क्याच्यो, गंभीर हुस्क्याच्यो वनस्पत आनी प्रण्यांच्यो प्रजाती वाठारात सापडुंक ना.
lii.	ह्या वाठारात रानां जीव राखण कायद्या अनुसूची (1972) I आनी II खालाच्यो कसल्योय प्रजाती दिसून आयल्यात? तांचो तपशील उपकार करुन दियात.	रानां जीव राखण कायदो (1972) च्या अनिसूची I आनी II खाला दिल्ल्यो प्रजाती वाठारात दिसून आयल्यो ना.
liii.	उपकार करुन प्रस्तावीत प्रकल्पाच्या कार्यवाही पांवड्यार जावपी आवाजाच्या बदलांचो तपशील दियात. उपकार करुन तांच्या शमन उपायांची म्हायतीय दियात.	वावरा वेळार किमान आवाजांच्या पांवड्याची SWPL जतनाय घेता. अद्ययावत तंत्रगिन्याना वांगडा नवी उपकरणां स्थापीत केल्ल्या उपरांत आवाजाचो पांवडो आनीकय उणो जातलो.
liv.	उपकार करुन प्रस्तावीत विस्तार आराखड्याक लागुन जावपी अतिरीक्त म्हालाच्या साठ्याखातीर सुरक्षा उपायांची प्रत दियात	आधुनिकीकरण प्रकल्पाक लागुन अतिरीक्त म्हालाचो साठो करपाची शक्यताय ना.
lv.	उपकार करुन आपत्ती वेवस्थापन आराखड्याची प्रत आनी कमान विश्वसनीय अपघात परिस्थीतीची प्रत दियात.	ईआयए अहवाल, प्रकरण 6: धोको विश्लेशण आनी आपत्ती वेवस्थापन आराखड्यात, सैमीक आनी मानव निर्मीत आपत्ती आनी त्या खातीरची तयारी आनी प्रतीसाद आराखड्याची म्हायती आसा. प्रकरणात अपघाताची वेगवेगळी परिस्थीतीय दिल्या.

iii. Reply to the letter received from the Government of Goa, Goa

SOUTH WEST PORT LTD.

Regd. Office : 1st Floor, Port Users Complex
Marmugao Harbour, Goa - 403 803. India
Bandra (East), Mumbai - 400 051
CIN : U45203GA1997PLC002369
Phone : 0832 - 252 3000
Fax : 0832 - 252 3006
Website : www.jsw.in

Date: 13.11.2017

To,
The Director (IA-III)
Infrastructure and Miscellaneous Projects & CRZ
Ministry of Environment, Forest & Climate Change (MoEF&CC)
Indira Paryavaran Bhavan, Jor Bagh Road
New Delhi- 110 003

Sub: Our response to the letter of the Hon. Chief Minister of Goa dated 14th August 2017, Terminal Capacity Enhancement at Berth 5A-6A of Mormugao Port for Handling Coal and Coal products, Iron Ore and Limestone including Unitised and Steel Products at Mormugao Port Trust, Mormugao, Goa by M/s South West Port Ltd. – Reg. [F.No.10-5/2015-IA.III]

Ref: Minutes of the 24th EAC meeting (Infra-2), hoisted on website dated 07.11.2017.

Dear Sir,

We are in receipt of the above mentioned letter forwarded by your good self *vide'* letter dated 6th November, 2017. As directed, we are humbly submitting our response to the contents of Hon. Chief Minister's letter of 14th August, 2017.

